# विष्णु सहस्रनामावळी



कोंकणी भाशेंतु अनुवाद आनि विवेचन

## नागेश दत्तात्रय सोन्दे

# पयलीं दोन उत्रं

श्रीमद् भगवत्पादाचार्य श्री मध्वाचार्यांनी भगवद्गीतातात्पर्य हे ग्रंथांतु सुरवातीकचि स्पश्ट केलिलें आसा *"शास्त्रेषु भारतं सारं तत्र नामसहस्रं । वैष्णवं कृष्णगीता च तज्ज्ञानात् मुच्यते अंजसा ॥"* - सर्व शास्त्रांतु महाभारत, तांतूत (विष्णु) सहस्रनाम आनी कृष्णगीता (भगवद्गीता) - तांचे ज्ञानान निश्चित मुक्ति प्राप्त जाता. जे तरेन असंख्य रत्नं आशिल्यान अथांग सागराक रत्नाकर म्हण्णुं संबोधन करताची तेची तरेन सहस्र नांवांनी सुशोभित जालिले विष्णुसहस्रनाम भक्ति-रत्नाकर म्हण्णुं भारतीय आध्यात्मिक प्रणालींतु भौमानित जालिलें आसा.

महाभारताचे रणांगणांतु दोन अतुलनीय असले संदर्भ श्री वेदव्यासांनी दार्शनिक रीतीन आमगेले मुखार दवरिले आसाची. महायुद्धाचे सुरवातीक श्रीमद् भगवद्गीतेचे मुखांतर कर्म-ज्ञान-योग त्रिपुटीचें वक्तव्य आनी महायुद्धाचे अखेरिक श्री विष्णु सहस्रनामांचे मुखांतर भक्तिरसाचें महत्व प्रदान केलिलें आसा. भारतांतले आध्यात्मिक आनी सांस्कृतीक इतिहासांतु हीं दोन ग्रंथं अजरामर जावनुं आसाची. कर्म-ज्ञान-योगाचो मार्ग मात्र स्वीकारनुं यश मेळयिले साधनेक जर ईश्वर नामाचो, भक्तीचो आनी शरणागतीचो सुगंध मेळो ना तर कदाचित् ते साधनेक अहंकाराचो आनी अहंभावनेचो दुर्गंध येवचो संभव आसता. देकून श्री कृष्ण आपूण योगी आनी ज्ञानी जनांले पेक्षां भक्तांले काळजांतु निरंतर वास करनुं आसता म्हण्णुं सांगता. *"नाहं वसामि वैकुंठे योगिनां हृदये रवौ । मद्भक्ता यत्र गायन्ति तत्र तिष्ठामि नारद ॥"*

श्री मध्वाचार्यांलो उपदेश भक्तिप्रधान आसा. *"ज्ञानपूर्वः परः स्नेहो नित्यो भक्तिरितीर्यते ।"* - परमात्माविशय ज्ञानपूर्वक केलिली मैत्री म्हळ्यार भक्ति. *"माहात्म्यज्ञानपूर्वस्तु सुधृढः सर्वतोऽधिकः । स्नेहो भक्तिरिति प्रोक्तस्तया मुक्तिर्न चान्यथा ॥"* - परमात्मा विशय ज्ञानाचि धृडता आनी सर्वांपेक्षां जास्त स्नेह आसचें म्हळ्यार भक्ति आनी ताजे मुखांतरचि मुक्ति मेळ्ता. विंगड स्वंयचेयी माध्यमांतल्यान मेळ्ना म्हण्णुं आचार्यांनी महाभारत तात्पर्यनिर्णयांतु स्पश्ट केलिलें आसा. हें सत्य राजा युधिष्ठिर जाणत आशिल्यान भीष्माचार्यांले अखेरचे क्षणाक क्षत्रियांक आवश्यक आसचे राजधर्माचो उपदेश मागत नासताना जीवनाचें अंतिम ध्येय आनी परमोच्च धर्माचें विवेचन करचाक सांगलें.

धर्म हो शब्द धृ - धारण करचें, आधारभूत आसचें, हे मूळ धात्वर्थाक लागून निर्माण जालिलो आसा. धर्म म्हळ्यार संसार बंधनांतल्यान मुक्त जावनुं मोक्ष दीवचे सनातन नियमाचें भाण्डार जावनुं आसा. देकून श्री वेदव्यासांनी धर्माची व्याख्या *"धारणात् धर्ममित्याहुः धर्मात् धारयते प्रजाः । यस्यात् धारण संयुक्तं स धर्म इति निश्चयः ॥"* - म्हण्णुं केलिली आसा. तेची तरेन *"धर्मात् अर्थश्च कामश्च"* - धर्माचो आधार घेवनूची अर्थ आनी काम हे पुरुशार्थ सफल करकाचि म्हण्णुं ताणीं सांगल्यां. *"आहारनिद्राभयमैथुनं च सामान्यमेतत् पशुभिर्नराणाम् । धर्मो हि तेषामधिको विशेषो धर्मेण हीनाः पशुभिः समानाः ॥"* देकून श्री वेदव्यास परत परत सांगताची *"ऊर्ध्वबाहुर्विरम्येष न च कश्चिच्छृणोति मे । धर्मादर्थश्च कामश्च स किमर्थं न सेव्यते ॥"* - हांवु दोनीं हात वयर करनुं कळ्कळीन सांगत आसा - अर्थ आनी काम धर्माक लागूनची प्राप्त जाताची. तरीयी धर्माचो कित्याक कोणीयीं पालन करनांची ?

कर्म करचें म्हळ्यार प्रकृतीक लागून आपण्याले त्रिगुणात्मक कार्य मात्र करचें म्हण्णुं न्हंय. मनुष्य जन्माक आयिले जीवाक मोक्ष साधनेखातीर उपयोजक आनी परिपोशक असलें कर्तव्यांचें आचरण आपण्याले विवेक बुद्धीक लागून करचेंचि कर्म जावनुं आसा. जेन्नां मनुष्य परमात्म्यालें सर्वोत्तमत्व जाणनुं तागेले चरणांतु आपण्याले स्वभावप्रत कर्मांचि आहुती अर्पण करता तेन्नां ते कार्यांक धर्मकर्म ही संज्ञा प्राप्त जाता. असले कर्माकचि श्री कृष्ण योग म्हण्णुं संबोधन करता - *"योगः कर्मसु कौशलम् ।"*

महाभारताचे अनुशासन पर्वाचे १४९ वे अध्यायांतु श्री विष्णु सहस्रनामाचें निरूपण केलिलें आसा. हे संदर्भाचि पार्श्वभूय हे तरेन आसा. महाभारताचे घोर युद्धांतु जालिले महासंहार पळयले उपरांत युधिष्ठिर दुःस्वान त्रस्त जालिलो आसता. भगवान श्री विष्णुलें निरंतर स्मरण करत शरशय्येवयर आपण्याले अखेरचे क्षणाची वाट पळयत आसचे भीष्म पितामहालागीं, मन अशांत आनी काळजांतु कोलाहल असले शोकग्रस्त स्थितींतु तो वता. वर्तमान जीवनाचो अर्थ,

भविष्यकाळचें ध्येय, धर्माचि व्याख्या, जगांतले श्रेष्ठ आश्रयस्वरूप पुरुषाले नाम जपाचि प्रथा ताका समजुवनुं घेवचि आसता.

हे सर्व प्रश्नांचे उत्तर म्हण्णुं भीष्माचार्य सांगता *"जगत्प्रभुं देवदेवमनन्तं पुरुषोत्तमम् । स्तुवन्नामसहस्रेण पुरुषः सततोत्थितः ।। तदेव चार्चयन्नित्यं भक्त्या पुरुषमव्ययम् । ध्यायन् स्तुवन्नामस्यंश्च यजमानस्तमेवच ।। अनादिनिधनं विष्णुं सर्वलोकमहेश्वरम् ।। लोकाध्यक्षं स्तुवन्नित्यं सर्वदुःखातिगोभवेत् ।।"* - जगाचो स्वामी, देवांलो देव, अनंत, पुरुषोत्तम स्वरूप श्री विष्णु भगवंताले हजार नावांचे जो मनुष्य दरदिवस सावधान जावनुं स्तुती करता, ते अविनाशी पुरुषाचि भक्तिपूर्वक पूजा करता, ध्यान धरता, प्रार्थना करता, नमस्कार करता, तागेलें यजन-पूजन करता, तेची तरेन आदि-अंत नाशिले, सर्व लोकांचो महेश्वर आनी सर्व जगाचो अध्यक्ष जावनुं आशिले तागेली स्तुती करता, तो (मनुष्य) सर्व दुःखांतल्यान मुक्त जाता.

स्वंय नाम-जप आनी नामसंकीर्तन जायत आसता थंयीचि आपण्यालें अस्तित्व आसता म्हण्णुं स्वतः भगवंतान आश्वासन दिलिलें आसा. ईश्वराले दर्शनाचि, ताका आलिंगन दिवचि, तागेले बरोबर उलोवचि, तागेलि स्तुति करचि, तागेले क्रिपाद्रिश्टींतलें उबेंतु स्वस्थ आसचें - हें सर्व भारतीय धर्म संप्रदायेंतले अविभाज्य घटक जावनुं आसा. ईश्वरालि नांवं आयकुवचिं, ते नांवांचे संकीर्तन आनी स्मरण करचें, तागेलि चरणसेवा- पूजा करचि, नमस्कार करचें, आपूण देवालो दासानुदास आसा ही भावना धरचि आनी अखेरीक भगवंताकचि आपण्यालें सर्वस्व समर्पण करचें हेंचि नवविधा भक्तीचें व्यापक स्वरूप जावनुं आसा. *"श्रवणं कीर्तनं विष्णोः स्मरणं पादसेवनम् । अर्चनं वंदनं दास्यं सख्यं आत्मनिवेदनम् ।।"*

श्रीमत् मध्वाचार्य आपण्याले महाभारत तात्पर्यनिर्णय हे ग्रंथांतु सांगताची *"ज्ञानपूर्णः परः स्नेहो नित्यो भक्तिरितीर्यते ।"* - भक्ति म्हळ्यार श्रीविष्णुसोर्त्तमत्वाचें ज्ञान प्राप्त करचें आनी तागेले प्रति स्नेहभाव दवरचे म्हळ्यार भक्ती. श्री शंकराचार्य भगवत्पादांले विचारबी हेचि आसाचि. *"गेयं गीता नामसहस्रं ध्येयं श्रीपतिरूपमजस्रम् । नेयं सज्जनसंगे चित्तं देयं दीनजनाय वित्तम् ।।"*. भीष्माचार्यांनि *'ध्यायन् स्तुवन्नामस्यं'* हे शब्द वापरल्याचि. श्री चैतन्य महाप्रभु नामसंकीर्तनाचे पुरस्कर्ते आशिले. ते भगवंताक उद्देशून म्हणताची *"नयनं गलदश्रुधारया वचनं गद्गदरुद्धया गिरा । पुलकैर्निचितं वपुः कदा तव नामग्रहणे भविश्यति ।।"* - हे भगवन् ! अशें केन्नां जायत जेन्नां तुगेलें नाम स्मरण करताना मेगेले दोळ्यांतल्यान अश्रूंची धार व्हावताली, उत्रं गद्गद जातालीं, गळो भरनुं येतालो आनी शरीर पुलकित जातालें !

देकून श्रीमद्भागवतांतु नमूद केलिलें आसा - *"अज्ञानादथवा ज्ञानादुत्तमश्लोकनाम यत् । संकीर्तनमघं पुंसोदहेदेधो यथानलः ।।"* - ज्ञानपूर्वक किंवा अज्ञानपूर्वक लाकडाक जर अग्नीचो स्पर्श जालो तर जे तरेन तें लाकूड जळनुं भस्म जाता ते तरेन भगवांताले नांवांचे संकीर्तन अकस्मात् जाल्यारियी मनुष्याले सर्व पापं नाश जाताची. थोडी अतिशयोक्तीचें आरोप स्वीकारनुं मनुस्मृतींतु म्हळ्यां - *"नास्तोऽस्ति यावती शक्तिः पापनिर्हरणे हरेः । श्वपचोऽपि नरः कर्तुं क्षमस्तावन्त किल्बिषम् ।।"* - नामस्मरणांतु पाप नाश करची जितेंलि शक्ति आसा तितलि शक्ति पाप करचें चांण्डालांतु बी ना.

हे तरेन नामस्मरण हें स्वाभाविक रीतीन चित्त शुद्ध करचें साधन जावनुं आसा. उदाक जे तरेन भायरचें मळ नाश करता ते तरेन नामस्मरण भितरले काळजांतलें मळ नाश करता. देकून ज्ञानी जनांले मत जावनुं आसा कीं स्तोत्र पठन, यज्ञ, कीर्तन, जप हीं सर्व साधकालें अंतिम ध्येय जावनुं आशिले श्री विष्णु भक्ती साध्य करचीं साधनं जावनुं आसाचि. श्रीमद् मध्वाचार्यांले मतान भक्ति हें साधन नासताना साध्य किंवा ध्येय जावनुं आसा. भक्ति भक्तीख्यातीरचि करची आसता, फळाचि अपेक्षा करनुं न्हंय.

भक्ति परंपरेंतु जप करचें महत्वाचें आसता. जप करचि प्रक्रिया ही योग-क्रिया म्हण्णुं मानचांतु येता. *"जपस्तु सर्व धर्मेभ्यः परमो धर्म उच्यते । अहिंसया च भूतानां जपयज्ञः ।।"* म्हण्णुं महाभारतांतु सांगल्यां. *"यज्ञानां जपयज्ञोऽस्मि"* म्हण्णुं भगवद्गीता स्पश्ट करता. विष्णु पुराणांतु *"ध्यायन् कृते यजन् यज्ञैः त्रेतायां द्वापरेऽर्चयन् । यदाप्नोति तदाप्नोति कलौ संकीर्त्य केशवम् ।।"* म्हण्णुं सांगल्या. *"नामरूपो व्याकरवाणि"* म्हण्णुं छांदोग्योपनिशद उपदेशिता. *"नास्त्यन्तो विस्तरस्य मे"* - आपण्याले नांवांक अंत ना म्हण्णुं श्रीकृष्ण गीतेंतु सांगता.

ॐ

श्रुण्वतः श्रद्धया नित्यं गुणतश्च स्वचेष्टितम् ।
कालेन नातिदीर्घेण भगवान् विशते हृदि ।।
प्रविष्ट कर्णरन्ध्रेन स्वाना भावसरोरुहम् ।
धूनोति शमलं कृष्णः सलिलस्य यथा शरत् ।।
धौतात्मा कृष्णपादमूलं न मुञ्चति ।
मुक्तसर्वपरिक्लेशः पान्थः स्वशरणं तथा ।।

भागवत पुराण (२. ८.४-५)

दरदिवस श्रद्धेन भगवंताले नाम स्मरण केलें कीं तो आपण्याले सर्व गुणांसयत शीघ्रतेन भक्तांले कानांतल्यान प्रवेश करनुं शरद ऋतुंतले उदकान स्वच्छ केलिले तरेन संसारांतले सर्व अवगुणं, आपण्याले श्यामल कृष्ण रूपाचे स्पर्शान धूंवनुं काडता. भवसागरांतलें सर्व पापं नाश जाल्लियान जे तरेन दूर प्रवास करनु थकलेलो पांथस्त आपण्यालें घर सोडना ते तरेन तो श्री कृष्णाले पाद कमलांचे त्याग करना.

***

ॐ

*ॐ नमो भगवते वासुदेवाय ।* ( द्वादशाक्षर मंत्र )

*ॐ नमो नारायणाय ।* ( अष्टाक्षर मंत्र )

*ॐ विष्णवे नमः ।* ( षडाक्षर मंत्र )

ॐ

*मेघश्याम पीतकौशेयवासं श्रीवत्सांङ्ककौस्तुभोभ्दासिताङ्गम्।*
*पुण्योपेतं पुण्डरीकायताक्षं विष्णुं वन्दे सर्वलोकैकनाथम् ॥*

मळबातरेन श्यामल रंगाचो, हळ्दुवे रंगाचे वस्त्र न्हेसिलो, श्रीवत्स चिन्ह धारण केलिलो, कौस्तुभ मणीन प्रकाशित जालिलो, कमला तरेन दोळे अशिलो, पुण्यपुरुष सर्व लोकांचो एकमात्र स्वामी श्री विष्णु भगवंताक हांवु नमस्कार करतां.

*यस्य स्मृत्या च नामोक्त्या तपोयज्ञक्रियादिषु ।*
*न्यूनं सम्पूर्णतां याति सद्यो वन्दे तमाच्युतम् ॥*

कोणांलें स्मरण आनी नाम उच्छार केलें कीं तप, यज्ञ आनी कर्मांतु आसचि उणीव तत्काल पूर्ण जाता ते श्री विष्णूक हांवु नमस्कार करतां.

*॥ श्री परमात्मने नमः ॥*

*यस्य स्मरणमात्रेण जन्मसंसारबंधनात् ।*
*विमुच्यते नमस्तस्मै विष्णवे प्रभविष्णवे ॥*

कोणांलें स्मरण केलें की जीव जन्म मरणाचें बंधनांतल्यान मुक्त जाता, तसले ते महा समर्थ विष्णु भगवंताक हांवु नमस्कार करतां.

*नमः समस्तभूतानां आदिभूताय भूभृते ।*
*अनेक रूपरूपाय विष्णवे प्रभविष्णवे ॥*

समस्त प्राणि जीवांचे पयलें प्रथम निर्माण जालिले भूमंडल धारण करनुं अनेक रूपाचे प्रभावशाली श्री विष्णूक हांवु नमस्कार करतां.

*वैशंपायन उवाच:*

*श्रुत्वा धर्मानिशेषेण पावनानि च सर्वशः ।*
*युधिष्ठिरः शान्तनवं पुनरेवाभ्यभाषत: ॥*

वैशंपायन म्हणालो :

सर्वतरेन सर्व धर्म आनी पवित्र आख्यानं आयकून युधिष्ठिर परत शंतनु पुत्र भीष्माक विचारता.

*युधिष्ठिर उवाच :*

*किमेकं दैवतं लोके किं वाप्येकं परायणम् ।*
*स्तुवन्तः कं कमर्चन्तः प्राप्नुयुर्मानवाः शुभम् ॥*

युधिष्ठिर म्हणालो :

हे जगांतु कसलें तें एक दैवत आनी स्वंयचो तो एक देव कोण शरणरूप आसा, कोणालि स्तुती आनी पूजा केलिल्यान मनुष्यालें कल्याण जाता ?

*को धर्मः सर्वधर्माणां भवतः परमो मतः ।*
*किं जपन् मुच्यते जन्तुजन्मसंसारबन्धनात् ॥*

सर्व धर्मांतु स्वंयचो तो धर्म जो तुमगेले दृष्टीन श्रेष्ठ आसा ? कोणालो जप केलिल्यान मनुष्य संसार जन्ममरणांचे बंधनांतल्यान मुक्त जाता ?

*भीष्म उवाच :*

*जगतप्रभुं देवदेवमनन्तं पुरुषोत्तमम् ।*
*स्तुवन्नामसहस्त्रेण पुरुषः सततोत्थितः ॥*
*तमेव चार्चयन्नित्यं भक्त्या पुरुषमव्ययम् ।*
*ध्यायन् स्तुवन्नमस्यंश्च यजमानस्तमेव च ॥*
*अनादिनिधनं विष्णुं सर्वलोकमहेश्वरम् ।*
*लोकाध्यक्षं स्तुवन्नित्यं सर्वदुःखातिगोभवेत् ॥*
*ब्रह्मण्यं सर्वधर्मज्ञं लोकानां कीर्तिवर्धनम् ।*
*लोकनाथं महद् भूतं सर्वभूतभवोद् भवम् ॥*

भीष्म म्हणालो :

जो मनुष्य दररदिवस जगाचो स्वामी, देवांलो देव, अनंत आनी पुरुषोत्तम स्वरूप श्री विष्णुभगवन्ताले हजार नावांचे स्तुति सावधान जावनुं करता, ते अविनाशी पुरुषाक भक्तिपूर्वक पूजता, ध्यान धरता, प्रार्थना करता, नमस्कार करता, तागेले निमित्तान यजन पूजन करता, तेची तरेन आदि आनी अंत नाशिले, सर्व लोकांचो महेश्वर आनी सर्व जगाचो अध्यक्ष जावनुं आशिले तागेली स्तुती करता, तो सर्व दुःखांतल्यान मुक्त जाता. ब्रह्मस्वरूप, सर्व धर्माचें ज्ञान आशिले, लोकांची कीर्ति वाढोवचे, सर्व लोकांचो नाथ, सर्वालें कल्याण करचे, प्राणिसयत सर्व जग उत्पन्न करचे ते महान् प्रभुलें स्तवन केलिल्यान मनुष्य सर्व दुःखांतल्यान मुक्त जाता.

विवेचन -

*जगत्प्रभुं* - जगाचे स्वामीक.

*"जगत् जङ्गमाजङ्गमात्मकं तस्य प्रभुः स्वामी तम् ।"* (श्री शांकराचार्य). *"सर्वोत्तमो हरिरिदं तु तदाज्ञयैव चेतुं क्षमं स तु हरिः परमः स्वतंत्रः ।"* (श्री मध्वाचार्य - महाभारत तात्पर्य निर्णय).

देवदेमनन्तम् - सर्व देवांलो देव.

तो ब्रह्म, रुद्र, रमा इत्यादि देवांपेक्षां स्वतंत्र आसून ते सर्व देव तागेले आधीन आसताची. *"ब्रह्मरुद्ररमादिभ्योप्युत्तमत्वं स्वतंत्रताम् । सर्वस्य तदधीनत्वं सर्वसद्गुणपूर्णताम् ॥ निर्दोषत्वं च विज्ञाय विष्णोः तत्राखिलाधिकः।"* (श्री मध्वाचार्य - गीतातात्पर्य).

*एष मे सर्वधर्माणां धर्मोऽधिकतमो मतः ।*
*यद् भक्त्या पुण्डरीकाक्षं स्तवैरर्चेन्नरः सदा ॥*
*परमं यो महत्तेजः परमं यो महत्तपः ।*
*परमं यो महद्ब्रह्म परमं यः परायणम् ॥*
*पवित्राणां पवित्रं यो मंगलानां च मंगलम् ।*
*दैवतं देवतानां च भूतानां योऽव्ययः पिता ॥*

मनुष्यान कमळ समान दोळे आशिले भगवंताले भक्तिपूर्वक स्मरण करका, ताका शरण वचका, तागेलि स्तुती आनी अर्चन करका. देकून सर्व धर्मांतु तोचि धर्म श्रेष्ठ आसा, अशें हांवु मानतां. जो देव महातेजस्वी, महाश्रेष्ट तप, महाश्रेष्ठ ब्रह्म, सर्व मनुष्यांस्वातीर अंतिम स्थान, पवित्रांतलो पवित्र आनी मंगलांतलो मंगलमय, सर्व देवांलो देव आनी सर्व भूतजार्तीचो अविनाशी बापय समान आसा . . .

**विवेचन -**

परमं ***यो महत्तेजः*** - कोणांलें तेज महान् आसा.

*"तद्देवा ज्योतिषां ज्योतिरायुर्होपासतेऽमृतम् ।".*

*परायणम्* - परम गती, परम लक्ष्य.

*"परम् अयनं परायणम्"* *"हरेर्नामैव नामैव मम जीवनम् । कलौ नास्त्येव नास्त्येव नास्त्येव गतिरन्यथा"* - हरीले नामस्मरण करचेंचि मेगेलें जीवन. कलिकाळांतु ताजे शिवाय माका विंगड गत्यंतर ना.

*दैवतं देवतानाम्* -

*"एको देवो सर्वभूतेषु गूढः ।"* (श्वेताश्वतरोपनिषद). सर्व प्राणिजीवांतु तो एकमात्र देव निवासित आसा. *"एकमेवाद्वितीयम् ।"* (छांदोग्योपनिषद) एकमात्र अद्वितीय रीतीन.

*यतः सर्वाणि भूतानि भवंत्यादियुगागमे ।*
*यस्मिंश्च प्रलयं यांति पुनरेव युगक्षये ॥*
*तस्यलोकप्रधानस्य जगन्नाथस्य भूपते ।*
*विष्णोर्नामसहस्रं मे शृणु पापभयापहम् ॥*
*ग़ानि नामानि गौणानि विख्यातानि महात्मनः ।*
*ऋषिभिः परिगीतानि तानि वक्ष्यामि भूतये ॥*

कोणांक लागून युगाचे सुरवातीक भूत-प्राणी निर्माण जाताचि आनी युगाचे अखेरीक परत लय पावताचि, असले सर्व लोकांतु प्रधान आनी जगाचो नाथ जावनुं आशिले, पाप आनी भय नाश करचे श्री विष्णुभगवंतालीं हजार नांवं, हे राजा, तूं मेगेले कडचान आयक. महात्मा विष्णुलिं हीं नांवं अप्रसिद्ध आसून जीं ऋषीनीं गायिलीं तीं नांवं हांवु तुका सांगता.

## श्री विष्णु सहस्रनामाचि सुरवात जाता

*॥ ॐ नमो भगवते वासुदेवाय पुरुषोत्तमाय ॥*

***ॐ विश्वं विष्णुर्वषट्कारो भूतभव्यभवत्प्रभुः ।***
***भूतकृद् भूतभृद् भावो भूतात्मा भूतभावनः ॥ १ ॥***

**ॐ - शब्दब्रह्म.**

उपासनेचि सुरवात नाद आनी शब्दाचे मुरवांतर जाता. ॐ हें नादाचे प्रतीक जावनुं आसून शब्द ताजें प्रमाण आसा. मानिलें आसा कीं विश्व निर्मितीचे सुरवातीक अनंत सागरांतु केवल श्रीमन्नारायण शेषशयनावयर विराजमान आशिलो. तेन्नां ताजे शिवाय विंगड कोणियीं अस्तित्वांतु नाशिलें. अनंत आनी शेष हे शब्दांनचि तेन्नांचि स्थिती सूचित जाता. असले अलौकिक वेळारि जेन्नां भगवान योगनिद्रेंतु आसता तेन्नां केवल तागेले हृदयाचे स्पंदन स्फुरण पावतालें आनी ते स्पंदनाचो नाद ॐकार जावनुं प्रगट जालो. देकून ॐ हे शब्दाचो उच्चार करनुं उपासनेचि सुरवात करचि प्रथा वेदकाळपासून आयल्या.

ॐ शब्दाचि व्याख्या *"ॐ इत्येदक्षरमिदं सर्वम् । भूत भवद् भविष्यदिति सर्वं ॐकार एव । यच्चान्यात् त्रिकालातीतं तदाप्योंकार एव ।"* म्हण्णुं मांडूक्योपनिषदांतु केल्या. ॐ हे एक अक्षराचे माध्यमांतल्यान सर्व विश्वाचें ज्ञान मेळता म्हण्णुं तैत्तिरीय उपनिषदांतु सांगल्यां *"ॐ इति ब्रह्म । ॐ इतिदं सर्वम् ।"*

भारतांतले भागवत संप्रदायेंतु इतलेंचि न्हंय तर जगांतले सर्व भक्तिसंप्रदायेंतु ईश्वरालें नांवाचे उच्चारण, स्मरण आनी कीर्तन - हीं भक्तिचिं सर्वश्रेष्ठ साधनं म्हण्णुं मानचांतु आयल्यांचि. *"अस्य जानन्तः नामचित् विवक्तन"* - हे नांवाचे यथार्थ समजून नामचिंतन म्हण्णुं ऋग्वेद वचन (१.१५६.३) आसा.

### (१) *विश्वं* - जो सर्व जगत् व्यापून आसा, तो.

युधिष्ठिराले *"किमेकं दैवतं लोके किं वाप्येकं परायणम्"* हे पयले प्रश्नयाक भीष्म एक शब्दान उत्तर दिता - *"विश्वम्"*. सर्व विश्वाक आश्रयस्वरूप आशिलें ब्रह्म तत्व विश्व म्हण्णुं सांगून परमात्मा आनी विश्वांतलो लागिचो संबंध ताणें दाखयला. देकून, विश्वाचि भक्ति हीचि विश्वव्यापक विष्णूलि भक्ति जावनुं आसा.

विश्व हो शब्द *विश्* धातूवयल्यान निर्माण जालो. *विश्* म्हळ्यार प्रवेश करचें. *"विशति इति विश्वं ब्रह्म ।"*. *"वेवेष्टि व्याप्नोतीति विष्णुः ।"* म्हण्णुं विष्णु पुराणांतु व्याख्या आसा. *"यथार्णनाभिः सृजते गृह्णते च . . . तथाऽक्षरात् सम्भवतीह विश्वम्"* म्हण्णुं मुण्डकोपनिषद (१.१.७) सांगता. *"तत्सृष्ट्वा तदेवानुऽप्राविशत्"* तैत्तिरीय उपनिषद (२.६.१) *"यस्माद् विश्वं इदं सर्वं तस्य शक्त्या महात्मनः । तस्माद् एव उच्यते विष्णुः विशध्तोः प्रवेशनात् ॥"* हें जग श्री विष्णूलेंचि एक स्वरूप जावनुं आसा. *"पूर्णमदः पूर्णमिदम् पूर्णात् पूर्णमुदच्यते"* ब्रह्म पूर्णस्वरूप आशिल्यान तागेलेपासून निर्माण जालिलें हें जगत् पूर्णस्वरूप आसा म्हण्णुं ईशावास्योपनिषद सांगता. *"पुरुष एवेदं विश्वम्"* (मुंडकोपनिषद). *"विश्वं वै ब्रह्मतन्मात्रं संस्थितं विष्णुमायया । ईश्वरेण परिच्छिन्नं कालेनाव्यक्तमूर्तिना ॥"* (भागवत पुराण) असलें अनेक विधानं श्रुति-स्मृतींतु नमूद जालिलीं आसाचि. श्री विष्णु जे तरेन सत्य आसा ते तरेन जगवी सत्य आसा. *"सत्या विष्णोर्गुणाः सर्वे सत्या जीवेशयोर्भिदा । सत्यो मिथो जीवभेदः सत्यं च जगदृदृशम् ॥"* - म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य महाभारत तात्पर्यनिर्णयांतु सांगताचि.

हे तरेन श्री विष्णूकचि विश्व म्हण्णुं संबोधन करनुं तागेले सर्वात्मकत्वाचें, व्यापकत्वाचें आनी सर्जनशीलतेचें प्रतिपादन केलिलें आसा.

(२) *विष्णु:* - **जो विश्वांतलें व्यापक चैतन्य जावनुं आसा, तो.**

श्रीमन्नारायण आपण्यालें तेजस्, ओजस् आनी चैतन्य संसारातु पसरायता म्हण्णुं तो व्यापनशील विष्णु आसा. *विश्* - क्रियाशील जावचें म्हण्णुं सांगून तागेलें विश्वनिर्माण कार्याचो उल्लेख जालिलो आसा. *वि'* धातूक 'स्नु' प्रत्यय लावनुं विष्णूक आदित्य समूहांतलो सूर्य आनी उडचि पक्षि म्हण्णुं मानचांतु येवनुं *"इन्द्रं मित्रं वरुणमग्निमाहु रथो दिव्य: स सुपर्णो गरुत्मान्"* हे ऋग्वेदांतले मंत्रा बरोबर संबंध दाखयलो.

(३) *वषट्कार* - **जो यज्ञांतु आहुती प्रदान करचे *वषट्* क्रिया जावनुं आसा, किंवा कोणाले खातीर क्रिया करचांतु येवचो जो *वषट्कार* आसा, तो.**

*यज्ञ* सुरवात करचें पयलें अग्नीक *"ये यजामहे अग्निं देवम्"* म्हण्णुं संबोधन करनुं *"अग्निं वीहि वौषट्"* म्हण्णुं आहुती दिवचांतु येता जी आहुती तो देवांक पावयता. हे क्रिये मागशीं मनुष्यान जीवनांतलीं आपण्यलिं सर्व कर्म विश्वांतु व्याप्त जावनुं आशिले परमात्माक अर्पण करची भावना आसता.

जे तरेन यज्ञ समारंभांतु वषट् म्हणची पद्धत आसता तेची तरेन विष्णुली पूजा आनी षोडश न्यास करताना वषट् शब्दाचो उच्चार करचो आसता. उदारण : *"ॐ शिखायै वषट्"* *"वषट ते विष्णवास आ कृणोमि तन्मे जुषस्व शिपिविष्ट हव्यम् । वर्धन्तु त्वा सुष्टुतयो गिरो मे यूयं पात स्वस्तिभि: सदा न: ।"*(ऋ.७.१००.७) - हे विष्णु तुगेले सन्मुख वषट् म्हण्णुं आमीं अग्नींतु आहुति अर्पण करताचि. किरणांनि प्रकाश पावचे सूर्यरूपी विष्णो आमगेली आहुति तूं स्वीकार कर. सुंदर स्तोत्र म्हणचि आमगेले वाणि तुगेलें व्होडपण प्रगट करूं.

बृहद् पराशर संहितेंतु सांगल्यां *"अर्चनं सम्प्रक्ष्यामि विष्णोरतुलतेजस: । यत्कृत्वा मुनय: सर्वेपरं निर्वाणमामुयु: ।। आनुष्टुभस्य सूक्तस्य त्रिष्टुमन्तस्य देवता । पुरुषो यो जगद्बीजं ऋषिर्नारायण: स्मृत: ।। प्रथमां विन्यसेद्वामे द्वितीयां दक्षिणे करे । तृतीयां वामपदे तु चतुर्थीं दक्षिणे न्यसेत् ।। पञ्चमीं वामजनौ तु षष्ठीं वै दक्षिणे न्यसेत् । सप्तमी वामकट्यां तु दक्षिणस्यां तथाष्टमीम् ।। नवमीं नाभिमध्ये तु दशयीं हृदये न्यसेत् । एकादशीं वामकुक्षौ द्वादशीं दक्षिणे न्यसेत् ।। कण्ठे त्रयोदशी न्यस्य तथा वक्रे चतुर्दशीम् । अक्ष्णो: पञ्चदशीं चैव विन्यसेन्मूर्ध्नि सोडशीम् । एवं न्यासविधिं कृत्वा पश्चात्पूजां समाचरेत् ।।"* - असामान्य आनी तेजस्वी विष्णूली पूजा पद्धत सांगत आसा, जी केलिल्यान मनुष्य सर्वोच्च मोक्ष मेळ्यता. हे नारायण सूक्ताचो छंद त्रिष्टुभ, देवता जगद् आनी बीजस्वरूप पुरुष नारायण ऋषी आसा. सहस्रषीर्ष सूक्त पठन करनुं पयले मंत्राचो दावे हातावयर, दुसरे मंत्राचो उजवे हातावयर, तिसरे मंत्राचो दावे पायावयर, चवथे मंत्राचो उजवे पायावयर, पांचवे मंत्राचो दावे दिंबीवयर, सव्वे मंत्राचो उजवे दिंबीवयर, सातवे मंत्राचो दावे खुळीवयर, आठवे मंत्राचो उजवे खुळीवयर, णव्वे मंत्राचो बेंबली वयर, धावे मंत्राचो हृदयावयर, इकरावे मंत्राचो दावे खांक्यांतु, बारावे मंत्राचो उजवे खांक्यांतु, तेरावे मंत्राचो कंठस्थानावयर, चौदावे मंत्राचो तोंडांतु, पंदरावे मंत्राचो दोळ्यावयर आनी सोळवे मंत्राचो माथ्यावयर - हे तरेन सोळा मंत्रांन शरीराचे ते ते अवयवांयर न्यास करनुं पूजा करचाक जाय.

*न्यास* करचें म्हळ्यार दवरचें किंवा अभिप्रेत करचें. हे तरेन न्यास करनुं दैवी शक्तिचो अंश शरीराचे ते ते अवयवांतु प्रस्थापित करचांतु येता. पृथ्वी, आप, तेज, वायु आनी आकाश हांचे पासून निर्माण जालिले शरीर हेंची अणुस्वरूपान विश्व आशिल्यान विश्वव्यापक विष्णूली दैवी शक्ति शरीराचे दरएक अवयवांतु प्रस्थापित करचि आसता.

*"देवो भूत्वा देवं यजेत् ।"*. श्रीमाध्व संप्रदायेंतु परमात्मा मनुष्याले अंत:करणांतु अशिल्यान हृदयाक गर्भगुडि म्हण्णुं माननुं शरीराक मंदिराचें महत्व दिलिलें आसा. देकून पूजेचि सुरवात करचें पयलें शरीराचे दर एक भाग अष्ट गंधान सुशोभित आनी पवित्र करनुं ते ते जाग्यार दैविक अंशाचो न्यास करताचि.

(४) *भूतभव्यभवत्प्रभु:* - जो भूत, भविष्य आनी वर्तमान काळाचो स्वामि जावनु आसा, तो.

अनादि भूत काळांतल्यान अनंत भविष्य काळादिकान हें जग वचत आसा. वर्तमान काळ मनुष्याक आपण्यालें आनी आपण्यातु निवासित परमात्माले अस्तित्वाचि जाण करनुं दिता. देकून वर्तमान काळचे दर एक क्षणांतु श्री विष्णुलें स्मरण करचें अगत्य आसा. *"पुरुष एवेदं सर्वं यद्भूतं यच्च भव्यम्"* म्हण्णुं ऋग्वेदांतु (१०.९०.२) आनी *"अहमादिश्च मध्यं च भूतानामन्त एव च"* म्हण्णुं गीतेंतु (१०.२०) परमात्माले सातत्य अर्जुनाक दाखयलें आसा. *"नान्तं न मध्यं न पुनस्तवादिं पश्यामि विश्वेश्वर विश्वरूप ।"* (११.१६). *"सर्वं खल्विदं ब्रह्म तज्जालन इति शान्त उपासित अथ खलु क्रतुमयः पुरुषः ।"* म्हण्णुं छांदोग्य उपनिषद (३.१४.१) प्रतिपादन करता.

### (५) *भूतकृद्* - जो जीव-जगताचो निर्माता जावनुं आसा, तो.

विष्णु परमात्मा सर्व जीवांचो निर्माता आसा. *"सत्वगुणमधिष्ठाय भूतानि बिभर्ति धारयति पोषयतीति"* - म्हण्णुं श्री शंकराचार्य व्याख्या करताचि. शतपथ ब्राह्मणांतु जीवोत्पादनचि प्रक्रिया नमूद जाल्या. *"ब्रह्म वै स्वयंभू तपोऽतप्यत । तदैक्षत न वै तपस्यानन्त्यमस्ति हन्ताहं । भूतेष्वात्मानं जुहूयामि भूतानि चात्मतीति । तत्सर्वेषु भूतेषु आत्मानं हत्वा भूतानि च आत्मानि सर्वेषां भूताना श्रेष्ठ्यं स्वारज्यम् आधिपत्यम् पर्यैत । तथैव तत् यजमानः सर्वमेधे सर्वान मेधान् हुत्वा सर्वाणि भूतानि श्रेष्ठ्यं स्वाराज्यं आधिपत्यं पर्यैत ।"* श्री विष्णु स्वेच्छेन सर्व प्राणिजीवांतु प्रवेश करनुं आपण्यालें श्रेष्ठत्व, स्वाराज्य आनी आधिपत्य प्रस्थापित करता. *"अहं कृत्स्नस्य जगतः"* *"अहं सर्वस्य प्रभवो मत्तः सर्वं प्रवर्तते"* (गीता ७.६; १०.८) *"सर्वेषां च हरिर्नित्यं नियंता तद्वशाः परे ।"* (श्री मध्वाचार्य - महाभारत तात्पर्यनिर्णय)

### (६) *भूतभृद्* - जो जीव-जगतांचो पालनकर्ता आसा, तो.

*"पिताऽहमस्य जगतो माता धाता पितामहः"* (गीता ९.१७). *"स सूक्ष्मो व्यापकः पूर्णः तदीयमखिलं जगत् तस्मात् तदीयः त्वमसि नैव सोऽसि कथंचन ॥"* (श्री मध्वाचार्य - गीता तात्पर्य) - श्री विष्णु सूक्ष्म, व्यापक, पूर्णस्वरूप आसून सर्व जग आनी जीव तागेलें आधीन आसा. देकून मनुष्य केन्नांयी स्वतंत्र आसना.

### (७) *भावः* - जो अस्तित्व जावनुं आसा, तो.

*"भावं यथार्थ रूपं । यथातथ्यं अजानंतः परं तस्य विमोहिताः"* (श्री मध्वाचार्य - गीताभाष्य). भाव म्हळ्यार यथार्थ स्वरूप. तें सत्यस्वरूप समज नासताना मनुष्य संसाराचे मोहांतु पडता. भगवंताक प्राकृतिक देह आसना. *"नासतो विद्यते भावो ना भावो विद्यते सतः"* (गीता २.१६). *"प्रादुर्भावा हरेः सर्वे नैव प्राकृतदेहिनः । निर्दोषगुणसंपूर्णा दर्शयत्यन्यथैव तु ॥"* (महाभारत तात्पर्यनिर्णय). *"स्त्रीपुंमलाभियोगात्मा देहो विष्णोर्नजायते ।"* म्हण्णुं पुराण वचन आसा.

### (८) *भूतात्मा* - जो सर्व जीव-जगतांतलो अंतर्यामि जावनुं आसा, तो.

*"एको देवः सर्वभूतेषु गूढः सर्वव्यापी सर्व भूतान्तरात्मा । कर्माध्यक्षः सर्वभूतादिवासः साक्षि चेता केवल निर्गुणश्च ॥"* (श्वेताश्वतर उपनिशद ६.११). *"अहमात्मा गुडाकेश सर्वभूताशयस्थितः"* (गीता १०.२०) *"विष्णुः सर्वव्यापित्वप्रवेशित्वादेः । विष्लृ व्याप्तौ विश प्रवेशने इति च पठंति"* हे तरेन विष्णु शब्दांतु व्याप्ति आनी प्रवेश हे दोन्नीयीं अर्थ आसाचि.

### (९) *भूतभावनः* - जो जीव-जगत्चि उत्पत्ती आनी वृद्धी करता, तो.

जीवालें विविध तरेचें विकसित जावचें हें भगवंताक लागुनचि आसता. *"यतो वा इमानि भूतानि जायन्ते येन जातानि जीवन्ति यत् प्रयन्ति अभिसंविशन्ति तद् विजिज्ञानस्व तद् ब्रह्मेति"* (तैत्तिरीय उपनिषद). कोणाक लागून ही प्राणिजन जन्माक येताचि, ती जीवताचि आनी लय पावताचि तें ब्रह्म म्हण्णुं समजचाक जाय. *"सोऽयं विहार इह मे तनुभृत्स्वभाव । सम्भूतयं भवति भूतिकृदेव भूत्याः"* - जगांतले अनेकानेक जीवांक आप-आपण्याले स्वभावानुसार मोक्ष प्राप्त जावूं म्हण्णुं भगवान स्त्रिश्टी निर्माण करता. (श्री मध्वाचार्य - महाभारत तात्पर्यनिर्णय)

*पूतात्मा परमात्मा च मुक्तानां परमा गतिः ।*
*अव्ययः पुरुषः साक्षी क्षेत्रज्ञोऽक्षर एव च ॥ २ ॥*

(१०) *पूतात्मा* : जो पवित्र आत्मा आसा, तो.

श्री विष्णु परमात्मा आनी तागेलें नांव पवित्र आसा. देकून *"अतिपातकयुक्तोऽपि ध्यायन्निमिषमच्युतम् । भूयस्तपस्वी भवति पंक्तिपावनः ॥"* (महाभारत) - जरी एक मनुष्य घोर पापी आसा तरी अच्युतालें एक नामस्मरणान तागेलें सर्व पाप नाश जावनुं तो पवित्र जनांले संगतींतु वावुरता. *"हरिर्हरति पापानि दुष्टचित्तैरपि स्मृतः । अनिच्छयापि संस्पृष्टो दहत्येव हि पावकः ॥"* (बृहन्नारदीयपुराण) - दुष्ट मनुष्य जरी इच्छा नासतानाबी श्रीहरिनाम स्मरण करता तर तागेलीं सर्व पापं तो हरण करता. *"हरेर्नामैव नामैव मम जीवनम् । कलौ नास्त्येव नास्त्येव नास्त्येव गतिरन्यथा ॥"* देकून हे कलिकालांतु मेगेले स्वातीर हरीलें नांवचि जीवन आसा शिवाय विंगड गति ना

(११) परमात्मा : जो श्रेष्ठ आत्मा आसा, तो.

*"कालाश्च देशगुणतोऽस्य न चादिरंतो वृद्धीक्षयौ न तु परस्य सदातनस्य । नतादृशः क्व च बभूव न चैव भाव्यो नास्तुत्यरः किमु परात् परमस्य विष्णोः ॥"* (श्री मध्वाचार्य - महाभारत तात्पर्यनिर्णय) सर्वकाळ एकची तरेन सर्वोत्तम आसून देश, काल, गुणांक लागून सुरवातीक किंवा अखेरीक भगवंताक वृद्धी किंवा क्षय ना. तागेले समान कोणियी मागशीं नाशिले आनी मुखार कोणियी आसचे नांची. आतांबी नांची. तागेले समान ना म्हळ्ळें की तागेले पेक्षां श्रेष्ठ कोणिंयी ना म्हणचें आवश्यक आसावे ?

(१२) मुक्तानाम् परमागतिः - जो मुक्त जनांले परम आश्रय स्थान आसा, तो.

मुक्ति मनुष्याली अंतिम अवस्था आसून ती भगवंताले अनुग्रहाक लागुनचि प्राप्त जाता. *"तद्विष्णोः परमं पदं तदा पश्यन्ति सूरयः ।"* (ऋ. १.२२). *"तत्प्रीत्यैव च मोक्षः . . . विष्णुर्हि दाता मोक्षस्य वायुश्च तदनुज्ञया । मोक्षो ज्ञानं च क्रमशो मुक्तिगो भोग एव च ॥ उत्तरेषां प्रसादेन नीचानां नान्यथा भवेत् ॥"*

(१३) *अव्ययः* - कोणाक विकार नां, तो.

*"अजरोऽमरोऽव्ययः"* (बृहदायण्मक उपनिशद ६.४.१५) ताका व्याधि ना, तो अमर आनी अव्यय आसा.

(१४) *पुरुषः* - जो आदि नारायण जावनुं आसा, तो.

*"पुरं यो ब्रह्मणो वेद यस्याः सपुरुष उच्यते "* - (अथर्ववेद १०.२.२८). शतपथ ब्राह्मणांतु (१३.६.२.१) पुरुष शब्दाची उत्पत्ती हे तरेन दिल्लिली आसा. पुरि म्हळ्यार हें जग आनी पुरुष म्हळ्यार तें *(योऽयम् पावते)* वायुतत्व, जें जगांतु वास्तव्य *(शेते)* करता. *"नवद्वारं पुरं पुण्यमेतैर्भावैः समन्वितम् । व्याप्य शेते महात्मा यत्तस्मात् पुरुष उच्यते ॥"* *(महाभारत)*. *"उपद्रष्टानुमन्ता च भर्ता भोक्ता महेश्वरः । परमात्मेति चाप्युक्तो देहेऽस्मिन्पुरुषः ॥"* (गीता. १३.२३). श्री रामानुजाचार्य पुरुषाची व्याख्या - *"पुरा-संज्ञे शरीरेस्मिन् शयनात् पुरुषो हरिः"* - म्हण्णुं करताची. श्री शंकराचार्याले शब्दांतु पुरुष म्हळ्यार - *"स एव नामरूपात्मानांतरबहिर्भावेन कार्यकारणरूपेन व्यवस्थितः ।"* तोचि पुरुष आसा जो नाम आनी रूप घेवनुं भितर भायर कार्य-कारण रूपान वावुरता. *"पुरु ब्रह्मगुणाधिक्यात् तज्ज्ञानात् पुरुषः स्मृतः । इति प्रवृत्ते । पुरु सरणात् पुरुषः इत्यर्थः ।"* (गीतातात्पर्य) - ब्रह्म पूर्णगुणसंपन्न आसा हे ज्ञानाक लागून पुरुष म्हणचांतु येता.

(१५) *साक्षी* - जो दृष्टा जावनुं आसा, तो.

*"कर्माध्यक्षः सर्वभूताधिवासः साक्षी ।"* (श्वेताश्वतर उपनिषद ६.११). श्री शंकराचार्य विवेचन करताना म्हणताची *"साक्षाद् अव्यवधानेन स्वरूपबोधेन ईक्षते पश्यतिसर्वमिति साक्षी ।"* (श्री शंकराचार्य). *"साक्षादीक्षते इति साक्षी । तथाहि बाष्कल्शाखायां - स सशक्षादिदमद्राक्षीत् तत् साक्षिणः साक्षित्वं ॥"* (श्री मध्वाचार्य - गीताभाष्य). साक्षी हें जीवांतु आसचें एक अलौकिक चैतन्येंद्रिय' आसा; ताका लागून मनुष्याक ज्ञानाचो अनुभव जाता. *"सुखादिविषयं स्वरूपभूतं चैतन्येन्द्रियं हि साक्षीत्युच्यते । तदभिव्यक्तं ज्ञानं चेति ॥"* हे साक्षीशिवाय ज्ञान प्राप्त जायना. *"न ज्ञनिदृष्टीमात्रेण प्रामाण्यं दृष्यते । अतो न सर्वमानानां प्रामाण्यं निश्चितं भवेत् ॥ साक्षिणा निश्चितं यत्र तत्प्रामाण्यं स्वक्षणम् ।"* सर्व जगत् परमात्म्याले प्रतिबिंब आनी नियंत्रणेंतु आशिल्यान श्री विष्णूचि साक्षी जावनुं आसा.

(१६) *क्षेत्रज्ञः* - जो शरीरांतलो निवासी आसा, तो.

क्षेत्र म्हळ्यार हें शरीर आनी क्षेत्रज्ञ म्हळ्यार शरीरांतु निवास करनुं आसचो स्वामि. *"क्षेत्रज्ञं चापि मां विद्धि"* (गीता १३.२). *"क्षेत्रज्ञो भगवान् विष्णुः न ह्यन्यः क्षेत्रमंजसा । वेत्यसौ भगवान् ज्ञेयो व्यक्ताव्यक्तविलक्षणः ॥ स तु जीवेषु सर्वेषु बहिश्चैव व्यवस्थितः ॥"* (श्री मध्वाचार्य - गीतातात्पर्य). *"क्षेत्राख्यानि शरीराणि तेषां चैव यथासुखम् । तानि वेत्ति स योगात्मा ततः क्षेत्रज्ञ उच्यते ॥:* - (ब्रह्माण्ड पुराण). पृथ्वी, आप, तेज, वायु आनी आकाश हीं पांच तत्वं, अहंकार, बुद्धि, तेचि तरेन नाक, जीभ, दोळे, कान आनी चामडी हीं पांच ज्ञानेन्द्रियं, हात, पाय, तोंड, जननेन्द्रिय आनी गुह्येन्द्रिय हीं पांच कर्मेन्द्रियं गंध, रस, रूप, स्पर्श आनी शब्द हीं पांच विषयं आनी इच्छा, द्वेश, सुख, दुःख, संघात, चेतना आनी धृति (धारणाशक्ति) हे सात भावना - हे सर्वांचे मिश्रणान क्षेत्र किंवा शरीर निर्माण जालिलें आसता. ते सर्वांचो नियामक परमात्मा आशिल्यान तोचि क्षेत्रज्ञ आसा.

(१७) *अक्षरः* - जो अविनाशी आसा, तो.

अक्षर म्हळ्यार जें केन्नांयी क्षर किंवा क्षीण जायनां, तें. *"कालाश्च देशगुणतोऽस्य न चादिरंतो वृद्धिक्षयौ न तु परस्य सदातनस्य ।"* (श्री मध्वाचार्य - महाभारत तात्पर्य निर्णय). परमात्मा सदासर्वदा एकचि तरेन आसून ताका काळ, देश, गुणांक लागून अंत, वृद्धि किंवा क्षय ना.

*योगो योगविदां नेता प्रधानपुरुषेश्वरः ।*
*नारसिंहवपुः श्रीमान् केशवः पुरुषोत्तमः ॥ ३ ॥*

(१८). *योगः* - जो परमात्मज्ञानाचें साधन आसा, तो.

योग म्हळ्यार चित्त नियंत्रित करचें. *"योगश्चित्तवृत्तिनिरोधः"* (पातंजल-योगशास्त्र). पुण आध्यात्मिक दृष्टीन योग शब्दाचो अर्थ विंगड रीतीन करचांतु येता. कठोनिषदांतु योगाचि व्याख्या पंचेन्द्रियांसयत मन आनी बुद्धि धारणा म्हण्णुं केलिली आसा. *"यदा पञ्चवतिष्ठन्ते ज्ञानानि मनसा सह । बुद्धिश्च न विचेष्टति तमाहुः परमां गतीम् ॥ तां योगमिति मन्यन्ते स्थिरामिन्द्रियधारणम् । . . ."* (२.३.११). *"दृष्ट्वा योगाः प्रयुक्ताश्च पुंसां श्रेयः प्रसिद्धये"* (भागवत पुराण). *"योगः उपायः"* - योग एक साधन आनी *"सम्यक् ख्यातिः ज्ञानं सांख्यम् । युज्यते अनेनेति योगः तदुपायः"* - व्यापक ज्ञान हें सांख्य आनी तें मेळोवचो साधन, योग म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य गीता तात्पर्यांतु सांगताचि. एक द्रिश्टीन भगवंतूचि साधन आनी साध्य जावनुं आशिल्यान तोचि योगाचें *'विधान'* आनी *परमलक्ष्य'* आसा.

(१९). *योगविदां नेता* - जो योगज्ञान आशिल्यांतु अग्रगण्य आसा, तो.

योग जाणतल्यांतु तो योगेश्वर. देकून साधकांले योगमार्गाचें मार्गदर्शन आनी संरक्षण तो करता - *"योगक्षेमं वहाम्यहम्"*. संजय श्री कृष्णाक योगेश्वर म्हण्णुं संबोधन करता *"यत्र योगेश्वरो कृष्णो यत्र पार्थो धनुर्धरः । तत्र श्रीर्विजयो भूतिर्ध्रुवा नीतिर्मतिर्मम ॥"* (गीता.१८.७८).

(२०). *प्रधानपुरुषेश्वरः* - जो प्रकृतीपेक्षां श्रेष्ट पुरुष आसा, तो.

प्रधान म्हळ्यार प्रकृति आनी पुरुष श्री विष्णु भगवान. पुरुषालें दोन प्रकारान प्रादुर्भाव जाता - क्षर आनी अक्षर. क्षर म्हळ्यार काळांतरान नाश पावचे जीव, आनी अक्षर म्हळ्यार अविनाशी जीवतत्व. पुरुषाले चैतन्याचे जालिले हे दोन अविश्कारांतु श्रेष्ठ अविश्कार अक्षर, प्रकृति, श्री, लक्ष्मी जावनुं आसा. श्री विष्णु क्षर आनी अक्षरापेक्षां श्रेष्ठ आशिल्यान तो पुरुषोत्तम किंवा प्रधानपुरुषेश्वर आसा. *"द्वामिमौ पुरुषौ लोके क्षरश्चाक्षर एव च । क्षरः सर्वाणि भूतानि कूटस्थोऽक्षर उच्यते ॥ उत्तमः पुरुषस्त्वन्यः परमात्मेत्युदाहृतः । यो लोकत्रयमाविश्य बिभर्त्यव्यय ईश्वरः ॥"* (गीता.१५.१६-१७). *"प्रकृतीं पुरुषं चैव प्रविश्यात्मेच्छया हरिः । क्षोभयामास सम्प्राते सर्गकाले व्ययाव्ययौ ॥ तस्माद्व्यक्तमुत्पन्नं त्रिगुणं द्विजसत्तम ।"* - हे ब्राह्मणश्रेष्ठ ! सृष्टीची उत्पत्तीकाळ आयले कीं श्री हरि आपण्याले स्वेच्छेन व्यय आनी अव्यय, पुरुष आनी प्रकृतींतु प्रवेश करनुं तांतूत क्षोभ निर्माण केलो आनी तांतूतल्यान त्रिगुणात्मक अव्यक्त उत्पन्न जाता.

(२१). *नारसिंहवपुः* - कोणें नारसिंहालें स्वरूप धारण केलिलें आसा, तो.

असुरवृत्तीचे हिरण्यकशिपूलि असुरवृत्ती नाश आनी प्रह्लादालि दैवीशक्ती रक्षण करचाक भगवंतान नारसिंहालो अवतार धारण केलो. असुर अहंकाराचें प्रतीक आसून ताजो नाश किंवा लय दिवस आनी रात्रीचे संधीकाळांतु किंवा श्वासोच्छ्वासाचे निमेश-उन्मेशाचे संधिकाळांतु - जाता. योग शास्त्रानुसार हो संधिकाळ सूर्य आनी चंद्रनाडींतु प्रवाह करचो प्राणुवायू जेन्नां सुषुम्न नाडींतु प्रवेश करता तेन्नां उदय जाता.

(२२). *श्रीमान्* - जो वैभवशाली आसा, तो.

*"यस्य वक्षसि नित्यं वसति श्रीः स श्रीमान्"* - विष्णुले वक्षस्थळावयर वैभवाचें प्रतीक जावनुं आशिली श्री लक्ष्मीदेवी सदाकाळ विराजमान आशिल्यान विष्णु श्रीमान् किंवा लक्ष्मीपति आसा.

(२३). *केशवः* - जो ब्रह्म आनी शंकराले स्वरूप स्वतःचे स्वरूपांतु समावेश करता, जो केशी दैत्याक संहार करता, किंवा कोणांले केस सुंदर आसाचि, तो.

कः म्हळ्यार ब्रह्म आनी ईश म्हळ्यार शंकर. तांगेले स्वरूप केशवांतु समावेश जालिलें आसा. *"आकाशात् पतितं तोयं यथा गच्छति सागरम् । सर्व देव नमस्कारं केशवं प्रतिगच्छति ॥"* ताका लागून चतुर्मुख ब्रह्म आनी शंकराक केलिले नमस्कारबी अखेरीक विष्णुकचि पावताचि.

भागवत पुराणांतु श्री कृष्णान केशी दैत्यालो संहार केलिलो संदर्भ आसा. केशी शब्दाचो अर्थ अश्व आनी तेचि तरेन प्राण म्हण्णुंबी आसा. जो पर्यंत प्राणवायु परम तत्वादिकान अभिमुख जायना तो पर्यंत जीवाचि प्रवृत्ती असुरगुणांन आकर्शित जाता. देकून जीवांतु आसची असुरवृत्ती संहार करचे श्री विष्णुक केशव म्हण्णुं संबोधन करचें योग्य आसा.

*"अभिरूपाः केशा यस्य सः केशवः"* - कोणाले केस सुंदर आसाचि, तो म्हण्णुंबी व्याख्या करचांतु येता.

(२४). *पुरुषोत्तमः* - जो सर्व पुरुषांतु उत्तम आसा, तो.

*"यस्मात् क्षरमतीतोऽहमक्षरादपि चोत्तमः । अतोऽस्मि लोके वेदे च प्रथितः पुरुषोत्तमः ॥"* (गीता १५.१९) - हांवु क्षर आनी अक्षरापेक्षां श्रेष्ट आनी उत्तम आशिल्यान माका लोकांतु आनी वेदांतु पुरुषोत्तम म्हण्णुं संबोधन करताचि.

*सर्वः शर्वः शिवः स्थाणुर्भूतादिर्निधिरव्ययः ।*
*सम्भवो भावनो भर्ता प्रभवः प्रभुरीश्वरः ॥ ४ ॥*

### (२५) . *सर्वः* - जो सर्व जगतांतु समावेश जावनुं आसा, तो.

*"एकं सूर्यो विश्वम् अनु प्रभूत . . . वि भात्येकं वा इदं वि बभूव सर्वम्"* (ऋ. ८.५८.२) - एक सूर्य सर्व विश्वांतु प्रगट जाता किंवा एक सूर्य सर्वकांय जाता. *"रूपं रूपं प्रतिरूपो बभूव तद् अस्य रूपं प्रतिचक्षणाय ।"* (ऋ. ६.४७.१८) - दर एक रूप परमात्मालें प्रतिरूप आशिले रूपाचें परीक्षण करका. पुण सर्वांतु एकचि तरेन किंवा एकचि प्रमाणान हे रूपाचे प्रादुर्भाव वा प्रकाश पडना हें लक्ष्यांतु दवरका.

सर्व प्राप्त जावचे आसल्यार साधकाक आपण्याले अंतःकरणांतु अधिष्ठित आशिले परमात्मालि अनुभूति पयलें जावचाक जाय. श्री मध्वाचार्य बृहदारण्यकोपनिषद्भाष्यांतु स्पष्ट करताचि *"योऽयं सर्वेषु जीवेषु नियामकतया स्तिथः स विष्णुराप्तकामत्वादात्मेत्येवोच्यते बुधैः . . . अतश्च सर्वलोकानामाश्रयो विष्णुरेव सः । एव यो वेत्ति विष्णोस्तु सर्वाधारत्वमुत्तमम् । सर्वाण्यपि हि भूतानि तस्यैच्छत्यविनाशिताम् ।"* - समस्त जीवगणांतु नियामक आशिलो विष्णु आप्तकाम आशिल्यान आत्मा म्हण्णुं घेता. . . विष्णूचि सर्व लोकांचो आश्रय आसा. हे तरेन विष्णुले उत्कृष्ट सर्वधारकत्व जाणचे समस्त जीवगणं अविनाशित्वाचि इच्छा करताचि. *"अहमात्मा गुडाकेश सर्वभूताशयस्तिथः ।"* (गीता.१०.२०)

### (२६). *शर्वः* - जो सर्वांलो संहार करता, तो.

श्री शंकराचार्य शर्व शब्दाचो अर्थ *"शृणति संहारसमये संहरति संहारयति वा सकलाः प्रजाः इति शर्वः"* म्हण्णुं करताचि. श्री विष्णु जे तरेन सर्व सृष्टीचो संरक्षक आसा ते तरेन तो नियामक आनी संहारकबी आसा.

### (२७). *शिवः* - जो शुद्धस्वरूप, शुभ आनी मंगलमय आसा, तो.

शिव म्हळ्यार जो षुद्ध आनी षुभसंकल्परपी आसा तो म्हण्णुं धात्वार्थ घेवका शिवाय शंकर आनी विष्णुमदलें ऐक्य दाखोवचाक न्हंय. वास्तविक गीतेंतु श्री कृष्ण आपण्याले विभूतींचे वर्णन करताना *"रुद्राणां शंकरश्चास्मि"* म्हण्णुं सांगून पुराण काळंतलो शिव किंवा शंकर हो आपण्याले विभूतिचो एक अंश म्हण्णुं स्पश्ट करता. अंश आनी पूर्ण एक समसमान आसूं शकनांचि.

### (२८). *स्थाणुः* - जो नित्य स्थिर आसता, तो.

स्थाणु म्हळ्यार अचल. विष्णु काळाचे पेलतडेन आशिल्यान काळ बदललो तैंरी तो बदलना. तो सदा स्थिर आनी निस्पंद आसता. उत्तर काळंतले पौराणिक साहित्यांतु शर्व शब्दातरेन स्थाणु हो शब्दबी शंकरालें नांव म्हण्णुं वापरचांतु आयल्यां. गीतेंतु (२.२४) *'स्थाणु'* शब्द जीवात्माक दिलिलो आसा. पुण जीवात्मा परमात्मालो प्रतिबिम्ब जावनुं आशिल्यान स्थाणु हो शब्द मूलतः श्री विष्णु परमात्माकचि उचित आसा. कारण तोचि नित्य, सर्वगत, स्थिर, अचल आनी सनातन आसा.

### (२९). *भूतादिः* - जो प्राणिजीवांचो मूळ कारण आसा, तो.

जो आदि, मध्य आनी अंत काळंतु आसता, तागेलोचि उल्लेख हांगा करचांतु आयला. श्री कृष्णान गीतेंतु स्पश्ट केलिले तरेन भगवान होचि सर्व जीवांक कारणीभूत आसता. *"मया ततमिदं सर्वं जगदव्यक्तमूर्तिना । मत्स्थानि सर्वभूतानि द चाह तेष्ववस्थितः ॥"* *(९.४)* *"अहं सर्वस्थप्रभवो मत्तः सर्वं प्रवर्तते"* *(१०. ८)*. *"अहमादिश्च मध्यं च भूतानामन्त एव च ।"* *(१०. २०)*. अर्जुनबी हें ज्ञान प्राप्त जालिल्यान उद्गार काडता - *"पितासि लोकस्य चराचरस्य"*.

**(३०). *निधिरव्यय:* - जो ऐश्वर्याचो अविनाशी भाण्डार जावनुं आसा, तो.**

श्री विष्णु परमात्मा सर्व विश्वांतु आविर्भूत जाल्यारियी तागेलें भाण्डार केन्नांयि संपना. जे तरेन *"पूर्णस्य पूर्णमादाय पूर्णमेवावशिश्यते ।"*, तेचि तरेन *"स भूमीं विश्वतो वृत्वाऽत्यतिष्ठद्दशांगुलम् ॥"* आसा. ते भगवंतान आपण्याले वैभव आनी प्रभाव सर्व विश्वांतु वांटल्यारियी तागेलें भाण्डार नित्य-निरंतर पूर्णतायेन भरिलें आसता.

**(३१). *संभव:* - जो स्वेच्छेन सर्जन जाता, तो.**

संभववचें म्हळ्यार आविर्भूत जावचें. गीतेंतु श्री कृष्ण आपण्याले अवतार कार्याविशय विस्तारान उलयता.*"प्रकृतीं स्वाम् अधिष्ठाय सम्भवामि आत्ममायया"* - प्रकृतीचो आधार घेवनुं आपूण आपत्याले स्वसामर्थ्यान सर्जनशील जाता. ताका साधारण मनुष्यजाती तरेन सुख दु:खाचो जन्म ना. तागेलो जल्म स्वेच्छेक लागून स्वत:चे सृजनशील जाता - *"तदात्मानं सृजाम्यहम्"*. तागेले सृजन कार्य विश्वांतले भायरचो अधर्म आनी दुश्चारित्र्य नाश करचें खातीर मात्र न्हंय तर मनुष्यांतलें अंतरंगांतु आशिली असूरी वृत्ती नाश करनुं थंय धर्म आनी साधुभाव प्रस्थपित करचे खातीर आसा. धर्म आनी साधुभाव म्हळ्यार ईश्वर भक्तिचि आतुरता आनी ब्राह्मीस्थितिचि आत्मीयता. आनी तें केवल भगवद्भक्तीक लागून प्राप्त जाता. देवर्षी नारद भक्तिसूत्रांतु सांगताचि *"लोकेऽपि भगवद्गुणश्रवणकीर्तनात्"*.

**(३२). *भावन:* - जो भक्तांले हित निरंतर चिंतन करता, तो.**

भगवंताक शरण गेलिलें भक्तांले हिताचे चिंतन करचें तोचि करता. *"अनन्याश्चितयन्तो मां ये जना: पर्युपासते । तेषां नित्ययुक्तानां योगक्षेमं वहाम्यहम् ॥"* (९.२२). *"ये भजन्ति तु मां भक्त्या मयि ते तेषु चाप्यहम् । अपि चेत् सुदुराचारो भजते मामनन्यभाक् । साधुरेव स मन्तव्य: सम्यग्व्यवस्थित: ॥"* (९.२९-३०). असलो भक्त व्यापक ज्ञानी जालिलो आसता.

**(३३). *भर्ता:* - जो भरण-पोषण करता, तो.**

भक्तांविशय विष्णुपरमात्माक आसचें प्रेम आनी तांगेले योगक्षेमाचि काळजी हांचे वर्णन करताना श्री मध्वाचाय महाभारत तात्पर्यनिर्णयांतु सांगताचि - *"तस्योदरस्थजगत: सदमंदसान्द्रस्वानंदतुष्टवपुषोऽपि रमारमस्य । भूत्यैनिजाश्रितजनस्य हि सृज्यसृष्ट्यावीक्षा बभूव परनामनिमेषकान्ते ॥"* - स्वत: निर्दोष, पूर्ण, व्याप्त, स्वरूपभूत असले आनंदान तृप्त शरीराचो आसल्यारियी, सर्व जग आपण्याले उदरांतु धारण करनुं अशिले ते श्रीमन्नारायणाक आपण्यांतु आश्रय घेवनुं आशिले जीवसमूहाचे कल्याणाखातीर पर नांवाचे प्रलद काळंतु सृष्टीक जरूर आसचे वस्तु निर्माण करची इच्छा जाली.

**(३४). *प्रभव:* - कोणाक लागून सर्व कांय प्रभावित जाता, तो.**

*"जन्म कर्म च मे दिव्यमेवं यो वेत्ति तत्वत: । त्यक्त्वा देहं पुनर्जन्म नैतिमामेति सोऽर्जुन ॥"* (गीता.४.९). कोणालो अविर्भाव दिव्य आसता तोचि प्रभव: म्हण्णुं घेवूं शकता. आनी जर मनुष्याक ते तरेन सर्जनशील किंवा प्रभावित जावचें आसा तर ताका गीतेंतु सांगिल्ली उपासना करचि पडता. *"महात्मनास्तु मां पार्थ दैवीं प्रकृतिमाश्रिता: । भजन्त्यनन्यमनसो ज्ञात्वा भूतादिमव्ययम् ॥"* (९.१३)

**(३५). *प्रभु:* - जो जगांतु प्रभावित आसा, तो.**

*"प्रभु: समर्थ: । नास्ति तस्मात् परं भूतं पुरुषाद्वै सनातनात्"* (श्री मध्वाचार्य - गीताभाष्य). सर्व जीव-जगत्‌चो नियामक आशिल्यान - *"सर्वोत्तमो हरिरिदं तु तदाज्ञयैव चेतुं क्षमं"* - श्री विष्णु सर्वालो प्रभु जावनुं आसा.

**(३६). *ईश्वरः* - जो सर्वापेक्षां श्रेष्ठ आसा, तो.**

सृष्टीचो आधार म्हण्णुं एक महान् इच्छा, ज्ञान, क्रिया शक्ति प्रभावित आसता. आनी विश्व ते शक्तिचें लीलाक्षेत्र आसता. ज्ञान, ऐश्वर्य, शक्ति, बल, वीर्य आनी तेज हे तरेन भगवंतालो अविश्कार जाता. हें स्वरूप सर्वांक दीसना देकून श्री कृष्ण अर्जुनाक दिव्य दृष्टी दिता. *"दिव्यं ददामि ते चक्षः पश्य मे योगमैश्वरम् ।"*.

*स्वयंभूः शंभुरादित्यः पुष्कराक्षो महास्वनः ।*
*अनादिनिधनो धाता विधाता धातुरुत्तमं ॥ ५ ॥*

**(३७) . *स्वयंभूः* - जो स्वतः जल्माक येता, तो.**

भगवंताक निर्माण कोणियीं करनांचि. तो स्वयंभू आनी स्वयंसिद्ध आसता. *"हिरण्यगर्भः समवर्तताग्रे भूतस्य जातः पतिरेक आसीत् । स दाधार पृथिवीं द्याम् उतेमां कस्मै देवाय हविषा विधेम ॥"* - भांगराचे रंगाचो, सर्वांपयलो, भूतगणांचो स्वामी, कोणे ही धर्तरी धारण केली ताका आमीं हवि अर्पण करनुं पूजताचि. ईशावास्य उपनिषदांतु भगवांताक *'परिभूः'* म्हळ्यार चारी दिकान प्रादुर्भाव जल्लिलो आनी *'स्वयंभू'* म्हळ्यार स्वयंनिर्माण जाल्लिलो म्हण्णुं वर्णन केल्यां.

**(३८). *शंभु* - जो सुख, शांति आनी कल्याण दिता, तो.**

वेदांतु शांतिपाठ करताना *"शं नो विष्णुः उरुगाय"* - विशाल पादक्रमण करचो विष्णु आमकां कल्याण करूं म्हण्णुं प्रार्थना करचि आसता. संकुचित व्यक्तित्व सोडनुं व्यापक असलें विष्णु तत्व स्वीकारचें हें अध्यात्मिक जीवनांतले सुरवातीचें पावूल आसता. शं म्हळ्यार कल्याण. शंभू म्हळ्यार कल्याणप्रद देव. देकून सत्पथावयर चलचें पयलें श्री विष्णुलें नामस्मरण करचें आवश्यक आसता.

**(३९). *आदित्यः* - जो अदितीलो पूत जावनु आसा, तो.**

वैदिक शास्त्र प्रमाणें विष्णु आदित्य संघांतलो एक देव जावनुं आसा. *"अष्टौ पुत्रासो अदितीर्ये जातास्तन्वस्परिदेवाँ उप प्रैत्सप्तभिः परा मार्तण्डमास्यत् ।"*. अदितीक मित्र, वरुण, धाता, अर्यमा, अंश, भग, आदित्य आनी मार्तण्ड अशें आठ पूत आशिले. हांतूतले पयले सात पूतांक घेवनुं ती देवलोकांतु गेली आनी आठवो पूत मार्ताण्डाक द्युलोकांतु विराजमान केलो आनी तोचि सूर्य स्थान आकाशांतु आसा. काळांतरान आदित्य मण्डलांतु त्वष्टा आनी विष्णुलो समावेश जालो. *"आदित्यानाम् अहं विष्णु"* म्हण्णुं गीतेंतु सांगल्या. विष्णु सत्वगुणाचो प्रतीक आशिल्यान सहस्रनाम पठन केलिले मनुष्यांलो सात्विक गुण तो प्रभावित करता. *"यो यो यां यां तनुं भक्तः श्रद्धयार्चितुमिच्छति । तस्य तस्याचलां श्रद्धां तामेव विदधाम्यहम् ॥"* (गीता - ७.२१).

वैदिक परिभाशेंतु अग्नि, आदित्य आनी सोम हांचो उल्लेख वाक्, प्राण आनी मनाचे संदंप ध्वनी, श्वासोच्छ्वास आनी भावना म्हण्णुं केलिलो आसा. जेन्नां ध्वनी आनी भावनेचो समावेश प्राणांतु जाता तेन्नां साधना पूर्णतायेक पावता. *"वेदाहम् एतं पुरुषं महान्तम् आदित्यवर्ण तमसः पुरस्तात्"*

**(४०). *पुष्कराक्ष* - कोणाले दोळे कमळातरेन आसाचि, तो.**

भगवंताक नाम ना, रूप ना, रंग ना. तरीपुण भक्ताले स्वातीर तो नाम, रूप आनी रंग धारण करता. *"आगतोऽयं कलिर्घोरो भविष्यन्ति पुनः खलाः । तत्संङ्गेनैव सन्तोऽपि गमिष्यन्त्युग्रतां यदा ॥ . . . अतः सन्तु दयां कृत्वा भक्तवत्सल मा व्रज । भक्तार्थं सगुणो जातो निराकारोऽपि चिन्मयः ॥"* - आतां थोडे दिसांनि घोर कलिकाल येता जेन्नां सज्जन वी दुर्जनांलें संबंधान वायट मार्गाक लागताचि. देकून तूवें भक्तांस्वातीर अवतार घेतिल्यान तूं आपकां सांडनुं वचनाका म्हण्णुं उद्धव भागवत पुराणांतु कृष्णाक प्रार्थना करता.

जेन्नां ऋषि देवाले दोळ्यांक कमळाचि उपमा दिता तेन्नां तें सार्थकचि आसा. कमळ सुंदरतायेचें, निर्मळतायेचें आनी निर्लेपतेचे प्रतीक आसा. संसारांतले सर्व दिकान पसरल्यारियी तो कमळातरेन उदाक आनी दोषांपासून अलिप्त आसा. श्री मध्वाचार्यांनी सांगिल्ले तरेन *"न तस्य कश्चिद्दोषोऽस्ति पूर्णाखिलगुणो ह्यसौ । सर्वदेहस्थरूपेषु प्रादुर्भावेषु चेश्वरः ॥"* (महाभारत तात्पर्य निर्णय).

भगवंताले **दोळ्यांक कमळाचि** उपमा दिवचांतु आध्यात्मिक उद्देशबी आसा. शरीरांतु केन्द्रित आसचे विंग-विंगड शक्ति बिंदूंक **योग शास्त्रांतु कमळाचें रूपक दिलिलें आसा. सर्व साधारण मनुष्याले शरीरांतले हे शक्ति-कमळांवयर** अज्ञानाचे पांघरूण **पडता. पुण भगवंतालीं हीं कमळं ऊर्ध्वमुखी आशिल्यान तागेलि दैवी शक्ति भक्ताले दृष्टीक ऊर्ध्वमुखि** आनी प्रफुल्ल **करता.**

## (४१). *महास्वनः* - **कोण महानाद स्वरूपाचो आसा, तो.**

जे तरेन **'*पुष्कराक्ष*'** हे नावांतु भगवंताले ज्योतिस्वरूपाचें सत् दर्शन जाता ते तरेन *'महास्वनः'* नावांतु नादब्रह्माचो अविश्कार जाता. ज्योति आनी नाद हे अनादि काळापासून आसचे भगवंताले आविर्भाव. जेन्नां मनुष्याले मन शुद्ध जाता तेन्नांचि भगवंताले हे ज्योतिर्मय आनी वाङ्मय स्वरूपाचि अनुभूति जाता. *"ध्वनिर् अन्तर्गतं ज्योतिर् , ज्योतिर् अन्तर्गतं मनः । तन्मनो विलयं याति यद् विष्णोः परमं पदं ।"*.

## (४२). *अनादिनिधनः* - **कोणाक जन्म किंवा मरण ना, तो.**

भगवंताले अस्तित्व अनादि आनी चैतन्य अनंत आसा. तागेले जन्म साधारण मनुष्यातरेन जायना. *"वसुदेवसुतो नायं नायं गर्भेऽवसत् प्रभुः । नायं दशरथाज्ञतो न चापि जमदग्नितः ॥ जायते नैव कुत्रापि म्रियते कुत्र एव तु ।"* (महाभारत तात्पर्य निर्णय) - हांवु वसुदेवालो पूत न्हंय किंवा देवकीले गर्भांतु निवास केलिलो न्हंय; हांवु दशरथापासून किंवा जमदग्नि पासून जन्मलो न्हंय. देकून जेन्नां ताका जन्मूचि ना तेन्नां ताका मरण तें स्वंयचे ? परमात्मातरेन जीवात्मा सुद्धां अजन्मा आनी अविनाशी आसा. जें नाश पावता तें केवल पंचभूतात्मक देह आसा. तरी सुध्दां मनुष्य मात्र जन्म-मरणाचें काळचक्रांतु भ्रमिष्ठ जालिलो आसता. जीवनाचें हें रहस्य जो समजता तोचि हे माया संसारांतल्यान मुक्त जाता.

## (४३). *धाता* - जो धारण करता, तो.

*"धर्मो विश्वस्य जगतः प्रतिष्ठा । धारणाद्धर्ममित्याहुर्धर्मेण विधृताः प्रजाः । यः स्याद्धारणसंयुक्तः स धर्म इति निश्चयः ॥"* म्हण्णुं व्यासोक्ति आसा. *"धर्मः भगवान् । तद्विषयं धर्म्यं । सर्वं जगत् धत्ते इति धर्मः । धर्मो इदमग्र आसीन्न पृथिवी न वायुर्नाऽकाशो न ब्रह्म न रुद्रो न देवा न ऋषयः सोऽध्यायत् ॥* (श्री मध्वाचार्य - गीताभाष्य).
भगवंत धर्मरूपान सनातन आसता.

## (४४). *विधाता* - जो कर्मफलाचो नियामक आसा, तो.

जगांतले सर्व प्राणिजीवांचे कर्मफलांचे विधाता श्री विष्णुभगवान आसा. देकून धर्माचें पालन करनुं, ताणें दिलिलें कर्मफल स्वीकारनुं, दुसऱ्यांक मेळिले फलाचि आशा करतनासताना, मनुष्यान जीवन जगचांतु श्रेय आसा. *"तेन त्यक्तेन भुंजीथाः मा गृधः कस्यस्विद्धनम् ।"* म्हण्णुं ईशावास्योपनिषदांतु म्हळ्ळां. श्री मध्वाचार्य *त्यक्तेन* शब्दाचो अर्थ दत्तेन (भगवंतान प्राप्त करनुं दिलिलें) फल म्हण्णुं करताचि.

## (४५). *धातुरुत्तमः* - जो उत्तम धातुचो आसा, तो.

श्री विष्णुलें शरीर सामान्य प्राकृति पंचभूतात्मक वस्तून निर्माण जालिलें नासताना शुद्ध, बुद्ध ब्रह्मस्वरूप आसा.

*"पंचभूतात्मकं देहो विष्णोः पश्यंत्ययोगिनः । तथा न योगिराद्धान्तो ज्ञानं देहो हरेरिति ॥"* - अज्ञानि मनुष्य श्री विष्णुलें देह पंच तत्वान निर्माण जाल्यां म्हण्णुं मानता. पुण योगी तें ज्ञानस्वरूप म्हण्णुं समजता म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य महाभारत तात्पर्य निर्णयांतु सांगताचि.

*अप्रमेयो हृषीकेशः पद्मनाभोऽमरप्रभुः ।*
*विश्वकर्मा मनुस्त्वष्टा स्थविष्ठः स्थविरो ध्रुवः ॥ ६ ॥*

## (४६). *अप्रमेयः* - कोणाक स्वंयचेयी तरेन जाणचें शक्य ना, तो.

*"आसीदुदारगुणवारिधिरप्रमेयो नारायणः परतमः परमात् स एकः ।"* (महाभारत तात्पर्यनिर्णय) - उत्कृष्ट आनी अनंत गुणांनी युक्त आसून समजचाक पेलतडेन आशिलो नारायण अत्युत्तमा पेक्षां उत्तम आशिलो तो एकचि एक आसा. *"केनेषितं पतति प्रेषितं मनः केन प्राणः प्रथमः प्रैति युक्तः । केनेषितां वाचमिमां वदन्तिचक्षुः श्रोत्रं क उ देवो युनक्ति ॥"*, केनोपनिशदांतले हे प्रश्नयाक श्री मध्वाचार्यांले उत्तर आसा : *"सर्वज्ञं सर्वशक्तिं च सर्वदोष विवर्जितः । यः प्राणस्य प्रणेता च चक्षुरादेश्च सर्वशः । अगम्यः सर्वदेवैश्च परिपूर्णत्वहेतुतः । प्राणादिनां प्रणेता च सर्ववेत्ताच सर्वशः । सर्वोत्तमश्च सर्वत्र स विष्णुरिति धार्यताम् ॥"* - तो सर्वज्ञ, सर्वशक्तिमान् , सर्वदोषांपासून अलिप्त, प्राणाचो प्रेरक, सर्वालिं दृष्टी आनी इन्द्रियं जावनुं आशिलो, आपण्याले परिपूर्णतेक लागून सर्व देवांपासून समज पावनाशिलो, तो प्राणादि देवांलो प्रेरक आसा. आनी जेन्नां इन्द्रियं मनांतु, मन प्राणांतु, आनी प्राण ते परम तत्वांतु स्थिर जाता तेन्नांचि मनुष्य ते पुरुषोत्तमालि अपरोक्षानुभूति अनुभवता.

## (४७). *हृषीकेशः* - जो इन्द्रियांचो स्वामी आसा, तो.

*हृषिकः* = इन्द्रियं, *ईशः* = स्वामी. जेन्नां मनुष्य आपण्याले इन्द्रियांवयर विजय पावता तेन्नां तागेले पांच तन्मात्रा - शब्द, स्पर्श, रूप, रस आनी गंध - पवित्र जाताचि आनी ताका परमात्माले दर्शन जाता. कारण अशुद्ध इन्द्रियांमुखांतर शुद्धस्वरूप श्री विष्णुलें दर्शन जायना.

हृषीकेश शब्दाचो दुसरो अर्थ सूर्यकिरणांचो पुंज म्हण्णुं जाता. *"हृष्टाः केशा रश्मयः सः हृषीकेशः ।"* सूर्य आनी चन्द्र किरणांन तो जग पोशण करता. *"सूर्यचन्द्रमसोः शश्वदंशुभिः केशसंज्ञितैः । बोधयन् सावापयंश्चैव जगदुत्तिष्ठते पृथक् । . . . हृषीकेशोऽहमीशानो वरदो लोकभावनः ॥"* (महाभारत).

## (४८). *पद्मनाभः* - कोणाले बेंबलींतले कमळांतल्यान जगाचें उगम जाता, तो.

*"अजस्य नाभावध्येकामर्पितम्"* (तैत्तिरीय उपनिषद ४.६.३) - सतः जन्म नाशिले तागेले बेंबलींतल्यान हें सर्व जन्माक येता. पद्म - कमल हें शुद्धस्वरूपाचें प्रतीक आसून परमात्मान जीव-ाजगत् निर्माण करचे हें उगम स्थान सात्विक भावनेन पूर्ण आसा.

नाभिकमल हें ज्ञान आनी क्रियाशक्तिचें अधिष्ठान जावनुं आसा. नाभि (बेंबली), हृदय, कंठ आनी जीभ हे वाणीचे चार स्थान जावनुं आसून श्री विष्णु नाभिकमलांतल्यान प्रगट जालिले चतुर्मुख ब्रह्माले चार मुखांतल्यान चार वेद प्रगटायता. जेन्नां वेदांचो अविष्कार मन आनी वाणि भेद करनुं प्राणद्धारा जाता तेन्नां ज्ञान क्रियाशक्तींतु परिवर्तन जाता.

जे तरेन चेरडु जन्माक येवचे पयलें आवयले गर्भांतु आसताना तिगेले नाभिंतल्यान अन्न स्वीकारता ते तरेन आध्यात्मिक जन्म जावचे पयलें साधकाक हेंचि नाभिस्थान जप, ध्यान आनी प्राणायामाचे केन्द्रस्थान जाता. जेन्नां मनुष्य आपण्यालो आत्मा स्थूल देहांतल्यान सूक्ष्म देहांतु व्हरता तेन्नां तागेलो दुसरो जन्म जाता आनी खरे तरेन तेन्नांचि तागेलो *द्विज* - दुसरो जन्म जावनुं शरीर दिव्य आनी तेजस्वी जाता.

## (४९). *अमरप्रभुः* - कोण मरण नाशिले देवांलो स्वामी आसा, तो.

देवांले देह सूक्ष्म आशिल्यान तांगेले देह नाश जायना. ते नित्य आनी सनातन आसून तांगेले अमृत देहाचो स्वामी साक्षात् श्री विष्णु आसा.

(५०). *विश्वकर्मा* - **कोणें विश्वाचे निर्माण केल्यां, तो.**

विश्वाचे निर्मिती श्री विष्णुले एक संकल्प, इच्छेक लागून जालि. *"कामस्तदग्रे समवर्तताधि मनसो रेत: प्रथमं यदासीत् ।"* आपूण अनेक तरेन प्रजननशील जावूं म्हण्णुं संकल्प केलो. *"तदैक्षत बहुस्यां प्रजायेऽयं इति तत्तेजोऽसृजत ।".*

(५१). *मनुः* - **कोणाक मनन करचि शक्ति आसा, किंवा कोण प्रप्रथम मानव जावनुं अवतार घेता, तो.**

*"नान्यतोऽस्ति मन्ता"* (बृहदारण्यकोपनिषाद ३.७.२३) - तागेले शिवाय मनन शक्ति आशिले विंगड कोणीयी नांचि. देकून मनु म्हळ्यार मन्ता - कोणाक मनन करचि शक्ति आसा, तो.

जेन्नां देवांनि केलिले यज्ञांतल्यान प्र-प्रथम पुरुष प्रतिबिम्ब रूपान निर्माण जालो आनी तो मनन केलिले मन्त्रांतल्यान जन्माक आयिलो मनु आनी तागेलि प्रजा मानव नांवांन ओळखुवचांतु आयले.

(५२). *त्वष्टा* - **जो निर्माण करता, तो.**

आदित्यसंघांतले अदितीले बारा पूतापैकी त्वष्टा हो एक पूत. *"धाता मित्रोऽर्यमा शक्रो वरुण: अंश एव च । भर्गो विवस्वान्पूषो च सविता दशमस्तथा ॥ एकादशस्तथा त्वष्टा द्वादशो विष्णुरुच्यते ।"* म्हण्णुं महाभारत सांगता. *"य: सहस्रतमो रश्मी रवेश्चन्द्रमुपाश्रित: । सोऽपि त्वष्टारमेवाग्निं परं चेह च यन्मधु: ॥"* - सूर्याली चन्द्र आनी म्होवांन परिपूर्ण आशिलीं सहस्र किरणं पृथ्वीवयर त्वष्टा आनी अग्नी रूपान अविष्कार जाल्यांचि म्हण्णुं बृहद्देवतांतु सांगल्या.

त्वष्टा हें नांव विविध रूपं निर्माण करचे तागेले कर्तुत्वाक लागून आयल्यां. *"त्वष्टा हि रूपाणि वि करोति ।"* (तैत्तिरीय ब्राह्मण २.७.२). *"त्वष्टा रूपविकर्ता च योऽसौ माध्यमिके गणे ।"* (बृहद्देवता ३.२५).

श्रीशंकराचार्य त्वष्टा शब्दाचो अर्थ *"संहारसमये सर्वभूततनुकरणतात्"* - विश्वाचे प्रलय काळांतु सर्व प्राणिजीवांक नाश जो करता तो, म्हण्णुं करताचि. हो अर्थबी सुसंगत आसा, जेन्नां आमी विष्णुलें हाजे नंतरचे नांव, स्थविष्ठ: हे शब्दाचो अर्थ अविनाशी, स्थिर म्हण्णुं करताचि तेन्नां अ-स्थिरतेंतु स्थिरतेचें दर्शन केवल परमात्मा दिता.

(५३). *स्थविष्ठ:* - **जो स्वत: स्थिर, अविनाशी आसा, तो.**

स्रिश्टी प्रलय जाले नंतर आयिले तेन्नां जो स्थिर आनी अविनाशी आसता तो केवल परमात्मा.

(५४). *स्थाविर:* - **जो अविरत आनी स्थिर आसा, तो.**

(५५). *ध्रुव:* - **जो सदा अचल आनी अविनाशी आसा, तो.**

काळाचे प्रभावाक लागून सृष्टींतले प्रत्येक वस्तु अस्थिर आसून निरंतर नाश पावता आनी पत्त जन्माक येता. पुण श्री विष्णु काळाचे पेल्तडेन आशिल्यान तो जन्म-मरणाचे काळचक्रापासून स्वतंत्र आसा. तागेलें अस्तित्व स्थिर, अविनाशी आनी अचल आसा.

*अग्राह्य: शाश्वत: कृष्णो लोहिताक्ष: प्रतर्दन: ।*
*प्रभूतस्त्रिककुब्धाम पवित्रं मंगलं परम् ॥ ७ ॥*

(५६). *अग्राह्य:* - **कोणाक मनान ग्रहण करचाक जायना, तो.**

प्रकृर्तीतले दर एक विषय मनुष्य आपण्याले मनाचे मुख्यांतर ग्रहण आनी बुद्धिक लागून विवेक करता. *"चित्तं एव हि संसारं तत् प्रयत्नेन शोधयेत् । यच्चित्तः तन्मयो भवति गुह्यं एतद् सनातनम् ॥"* (मैत्रि उपनिशद ६.३४). *"चित्तं कारणं अर्थानां तस्मिन् सति जगत् त्रयम् । तस्मिन् क्षीणे जगत् क्षीणम् तत् चिकित्स्यम् प्रयत्नतः ॥"*(योगवशिसष्ठ). देकून अष्टावक्र ऋषी सांगता, *"शरीरं स्वर्गनरकौ बन्धमोक्षौभयं ततः । कपनामात्रं एवैतत् किं मे कार्य चिदात्मनः ॥"*

केवल परमात्मा मन,बुद्धी आनी वाणीचे पेलतडेन आसा - *"यतो वाचो निवर्तन्ते अप्राप्य मनसा सह"* परमात्मा अग्राह्य आसल्यार तागेलें ज्ञान स्वंयचे तरेन मेळतालें ? भगवंताक भावनेचि भूख आसता. तो ज्ञानान उज्वल, शक्तीन मंगल आनी प्रेमन आनंदरूपी आसा. देकून गीतेंतु श्री कृष्ण अनुमोदन करता, *"देवान्भावयतानेन ते देवा भावयन्तु वः । परस्परं भावयन्तः श्रेयः परमवाप्स्यथ ॥"* (३.११) आनी आश्वसन दिता, *"ये तु सर्वाणि कर्माणि मयि संन्यस्य मत्पराः । अनन्येनैव योगेन मां ध्यायन्त उपासते ॥ तेषामहं समुद्धर्ता मृत्युसंसारसागरात् । भवामि नचिरात्पार्थ मय्यवेशितचेतसाम् ॥"* (१२.६-७). हे तरेन अग्राह्य परमात्माक ग्राह्य करचि शक्ति साधकाक केवल गुरूक शरण गेलिल्यान प्राप्त जाता. *"तद्विद्धि प्रणिपातेन परिप्रश्नेन सेवया । उपदेक्ष्यन्ति ते ज्ञानं ज्ञानिनस्तत्त्वदर्शिनः ॥"* (४.३४).

### (५७). *शाश्वतः* - जो अविनाशी, नित्य आसून विकार पासून अलिप्त आसा, तो.

मनुष्य अनित्य संसारांतले दर एक क्षण भूतकाळ्यंतु मेळ्नुं नाश पावताचि. पुण परमात्मालें शाश्वत क्षणाचो साक्षात्कार जाले कीं - *"विनश्यत्सु अविनश्यन्तं यः पश्यति स पश्यति"* - तागेले जीवन नवीन वळण घेवनुं भगवंताले अनुग्रहाक अधिकारी जाता.

### (५८). *कृष्णः* - जो आकर्शण करता, जो श्याम वर्णाचा आसा, जो अत्यन्त गूढ आसा, तो.

*'नियमनादिना सकललोककर्षणात् कृष्णः ।'* *"यतः कर्षसि देवेश नियम्य सकलं जगत् । अतो वदंति मुनयः कृष्णं त्वां ब्रह्मवादिनः ॥"* म्हण्णुं कूर्म पुराणांतु म्हळ्यां. अग्राह्य आसल्यारियी परमात्मा निज भक्तांक आपण्यादिकान आकर्शित करता. *"मय्यर्पितमनोबुद्धिर्मामेवैष्यस्यसंशयम् । अभ्यासयोगयुक्तेन चेतसा नान्यगामिना । परमं पुरुषं दिव्यं यातिपार्थानुचिन्तयन् ॥"* (गीता. ८.७-८).

### (५९). *लोहिताक्षः* - कोणांले दोळे तांबूस रंगाचे आसाचि, तो.

*"स मा वृषभो लोहिताक्षः"* (तैत्तिरीय आरण्यक ४.४२). अग्निचे सात जीभ आसताचि - कराली, मनोजवा, सुलोहिता, सुधूर्मा, स्फुलिंगिनी आनी विश्वरूपिणी. अग्निचे कार्य सर्व विषय शुद्ध करचें आसा. देकून अग्निक *'पावकः'* म्हणताचि. सुलोहिता हें अग्निचें तें रूप आसा जें मनांतले संकल्प आनी कामेच्छा शुद्ध आनी पवित्र करता. श्री विष्णुले दोळे *लोहिताक्ष* आशिल्यान मनुष्यांले जीवन शुद्ध आनी कल्याणकारी स्वरूपांतु परिवर्तन करता. *"धर्माविरुद्धो भूतेषु कामोऽस्मि"*, म्हण्णुं सांगून भगवंत आपण्याले शुद्ध संकल्पाचि कल्पना व्यक्त करता.

### (६०). *प्रतर्दनः* - जो विनाश करता, तो.

श्री विष्णुसहस्रनामाचें पारायण करचाक सुरवात केलिकीं तागेले अंतःकरणांतलें अहंकारावयर पयलो आघात पडता. जे तरेन सूर्योदय जावचें पयले अरुणोदय जाता ते तरेन मनांतलो अंधःकार नाश जावचें परलें काळजांतलो अहंकार दूर करचें पडता. सूर्योदया तरेन ज्ञानोदय सुद्धां एक क्षणांतु न्हंय तर सावकाश जाता. मनुष्याले प्रयत्न केन्नांयी असफल जायनांचि हें श्री कृष्णाले आश्वासन आसा. *"नेहाभिक्रमनाशोऽस्ति प्रत्यवायो न विद्यते । स्वल्पमस्य धर्मस्य त्रायते महतो भयात् ॥"* (गीता.२.४०). काळजांतलो काम नाश जालो कीं थंय राम निश्चित निवास करता. *"तेषामेवानुकम्पार्थमहमज्ञानजं तमः । नाशयाम्यात्मभावस्थो ज्ञानदीपेन भास्वता ॥"* (गीता. १०.११)

### (६१). *प्रभूतः* - जो ज्ञान आनी ऐश्वर्यान संपन्न आसा, तो.

मनुष्य अज्ञानाचे अंध:कारांतु वावुरता; परमेश्वर ज्ञानाचे प्रकाशांतु झगझगता. वास्तविक प्रकाश हो परमात्मालो गुणधर्म जावनुं आसा. तागेलो प्रकाश पसरले नंतरचि सर्व कांय प्रकाशमय जाता - *"तस्य भासां विभाति सर्वम् ।"*

## (६२). *त्रिककुब्धामः* - जो तीन दिशांचो आश्रयदाता आसा, तो.

ऊर्ध्व, मध्यम आनी अधः ; अंतरिक्ष, पृथ्वी आनी पाताळ ; भूत, वर्तमान आनी भविष्य ; जाग्रत, स्वप्न आनी सुषुप्ति - हीं सर्व काळचे आधीन आनी अ-स्वतंत्र आसाचि. भगवंताले अनुग्रहाक लागून दर एक गतीक गुणधर्म आसताचि - ऊर्ध्व गतीक सात्विक, मध्यम गतीक राजसिक आनी अधोगतीक तामसिक गुण. ते ते जीवांले योग्यतेक लागून भगवंत आश्रय आनी मोक्ष दिता. श्री मध्वाचार्यांनी सांगिल्ले तरेन *"त्रिविधा जीवसंघास्तु देवमानुषदानवाः । तत्र देवा मुक्तियोग्या मानुषेषूत्तमास्तथा ।। मध्यमा मानुषा ये तु सृतियोग्याः सदैव हि । अधमा निरयायैव दानवास्तु तमोलयाः ।। . . . तस्माद्योग्यानुसारेण सेव्यो विष्णुः सदैव हि । . . . द्रष्टुं शक्यो हरिः सर्वैर्नान्यथा तु कथंचन ।।"* (महाभारत तात्पर्यनिर्णय).

## (६३). *पवित्रं* - जो शुद्ध आनी पावनकारी आसा, तो

*"येन पुनाति, यो वा पुनाति"* - जो पावन करता किंवा कोणांले मुखांतर (मनुष्य) पावन जाता, म्हण्णुं श्री शंकराचार्य पवित्र शब्दाचो अर्थ सांगताचि. ***"परं ब्रह्म परं धाम पवित्रं परमं भवान् ।"*** म्हण्णुं अर्जुन श्री कृष्णालें वर्णन करता.

## (६४). *मङ्गलं परम्* - जो श्रेष्ठ आनी कल्याणकारी आसा, तो.

श्री विष्णु सर्व जीवांपेक्षां श्रेष्ठ आनी कल्याणकारी आसा. *"अशुभानि निराचष्टे तनोति शुभसन्ततिम् । स्मृतिमात्रेण यत् पुंसा ब्रह्म तन्मङ्गलम् ।।"* - देकून ताका ब्रह्मरूपी, कल्याणकारी म्हणताचि आनी तागेलें स्मरण केलें कीं सर्व अशुभ नाश जाता आनी शुभ फल प्राप्त जाता, म्हण्णुं विष्णु पुराण सांगता. परमात्मालें नित्य, निरंतर नामस्मरण हेंचि जीवनांतले असाधारण आनी कल्याण कार्य आसा.

*ईशानः प्राणदः प्राणो ज्येष्ठः श्रेष्ठः प्रजापतिः ।*
*हिरण्यगर्भो भूगर्भो माधवो मधुसूदनः ।। ८ ।।*

## (६५). *ईशानः* - जो सर्व नियामक परमात्मा आसा, तो.

परमात्माले नियंत्रणे सकयल जगाचें जीवन सुरळीत चलता. *"मयाध्यक्षेण प्रकृतिः सूयते सचराचरम् ।"* म्हण्णुं श्री कृष्ण गीतेंतु सांगता. दर एक जीवांतलि शक्ति सीमित आसल्यारियी ती हेचि मूळ शक्तिचि स्रोत रूपी आसा. *"यद्यद्विभूतिमत् सत्वं श्रीमदूर्जितमेव वा । तत्तदेवावगच्छ त्वं मम तेजोंशसंभवम् ।।"* (गीता. १०.४०).

## (६६). *प्राणदः* - जो प्राण प्रदान करचो परमात्मा आसा, तो.

परमात्मालि अमूर्त प्राणशक्ति दर एक जीवांतु तेजरूपान, प्राणरूपान अविर्भूत आसता. *"स उ प्राणस्य प्राणः . . . यत् प्राणेन न प्राणिति येन प्राणः प्रणीयते । तदेव ब्रह्मत्वं विद्धि नेदं यदिदुपासते"*- केन उपनिशदाचे (१.२-९) हे मंत्रावयर भाष्य करतानां श्री मध्वाचार्य स्पश्ट करताचि - *"सर्वज्ञं सर्वशक्तिं च सर्वदोषविवर्जितम् । यः प्राणस्य प्रणेता . . . सर्ववेत्ता च सर्वशः । सर्वोत्तमोश्च सर्वत्र स विष्णुरिति धार्यताम् ।।"* - तो सर्व सर्वज्ञ आनी शक्तिमान् आसून सर्व दोषांसासून मुक्त आसा. तो प्राणाचो प्रेरक, सर्वज्ञ आनी सर्वोत्तम श्री विष्णु आसा.

## (६७). *प्राणः* - जो अंत:करणांतलि चैतन्यशक्ति जावनुं आसा, तो.

दर एक मनुष्याले अंतःकरणांतु सुप्तावस्थेंतु चैतन्य आसता. *"विद्युतः सूर्यादिप्रकाशान् आ समंतात् व्यद्युतत् प्रकाशयत् । . . . स वै क्लिायं पुरुषः पुरातनो य एक आसीदविशेष आत्मनि । अग्रे गुणेभ्यो जगदात्मनीश्वरे निमीलितात्मा निशि सुप्तशक्तिषु ॥ इति वचनात् ॥"* (केनोपनिषद्भाष्य) - सूर्यप्रकाशातसले झगझगचे तें चैतन्य सर्व वस्तूंक झगझगायता, प्रकाशयता. केवल तो मात्र प्राधान्यतेन सत्वादि गुणांनी परिपूर्ण श्रीमन्नारायण अंतर्मुख (योगनिद्रेंतु) आसून आपण्यालि शक्ति सुप्तावस्थेंतु धारण करनुं आसता म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य स्पश्टायताचि.

देकून दरएक देव आनी जीवांतु सुप्तावस्थेंतु चैतन्यरूपान व्यापून आशिले विष्णुलें संकीर्तन, स्मरण, ध्यान आनी मनन करचांतु मनुष्यालें श्रेय आनी ताका लागून मोक्ष प्राप्त जाता. *"तां नियामकं भगवद्रूपमुपास्यैव मोक्षो भवति देवतासु भगवंतमुपास्य तत्तद्देवतासमीपं प्राप्य पुनः स्वहृदिस्थमुपास्यैव मोक्षो भवति ॥"* (मध्वाचार्य - बृहदारण्यकोपनिषद्भाष्य).

श्री विष्णु प्राणाचो अधिष्ठान आसता. *" प्रधानं धाम विष्णोस्तु प्राण एव प्रकीर्ततः । उपायैर्यो विजानियात्प्राणस्थं परमेश्वरम् । तस्य प्राणे हरिर्नित्यिमाविष्णो भवति धृवम् ॥"*

**(६८). *ज्येष्ठः श्रेष्ठः* - जो सर्वांतु व्होड आनी वैभवशाली आसा, तो.**

*"ॐ यो ह वै ज्येष्ठञ्च श्रेष्ठञ्च वेद ज्येष्ठश्च श्रेष्ठश्च स्वानां भवति"* म्हण्णुं प्राणाविषय उल्लेख छांदोग्योपनिषदांतु (५.१) आयला. प्राणाचे मुखांतर, प्राणाचे उपासनेन प्राणांतु अंतर्गत आशिले विष्णुले ज्ञान संपादन केलिल्यानचि मनुष्याक मोक्ष प्राप्त जाता.

**(६९). *प्रजापतिः* - जो सर्व प्राणिजातींचो स्वामी आसा, तो.**

*"वायुर्यमोऽग्निर्वरुणः शशाङ्कः प्रजापतिस्त्वं प्रपितामहश्च ।"* (गीता ११.३९). प्रजापति हे ब्रह्मदेवांलेबी नांव आसा. कित्याक तर हें श्रीविष्णुलें प्रजानन कार्याचें हें पयलें प्रथम व्यक्त रूप आसा.

**(७०). *हिरण्यगर्भः* - कोणांले चैतन्यरूप भांगरा तसलें आसा, तो.**

श्री विष्णुले प्रजानन कार्याचें पयलें प्रथम रूप भांगरातरेन प्रकाशाचें आश्रय स्थान आशिलें. *"हिरण्यगर्भः समवर्तताग्रे भूतस्य जातः पतिरेक आसीत् ।"* हे तरेन विष्णुतत्वाचें सर्जन कार्याचे मूल स्रोत - इच्छा, ज्ञान आनी कार्य - हिरण्यगर्भ नावांतु समाविश्ट जालिलें आसा.

**(७१). *भूगर्भः* - जो पृथ्वीचे भितरि आसा, तो.**

श्री मध्वाचार्य बृहदारण्यकोपनिषद्भाष्यांतु स्पश्टायताचि, *"फेनरूपस्तु यो मण्डो जलस्यासौ सुसंहतः । पृथिवीत्वं समापन्नः तस्यां शिश्ये जनार्दनः ॥"* - उदकाचे फेसांतु वीर्य मेळिल्यान पृथ्वी निर्माण जालिली आसून ताजे वयर श्री जनार्दन शयन करता. देकून श्रीविष्णु भूगर्भः आसा.

**(७२). *माधवः* - जो श्री किंवा लक्ष्मीलो पति जावनुं आसा, तो.**

*"मायाः श्रियः धवः पतिः माधवः"* - श्री किंवा लक्ष्मीदेवीलो स्वामी म्हण्णुं श्री शंकराचार्य माधव शब्दाचो अर्थ करताचि. श्री मध्वाचार्य छांदोग्योपनिषद्भाष्यांतु *"य आदित्यगतो विष्णुः स एव मधुनामकः । मदधिर्मध्वित प्रोक्तो मदः सुखमिहोच्यते । अ इत्यधक्यमुद्दिष्टं मद् ज्ञनितातिरुच्यते ॥"* - आदित्यांतर्गत विष्णुचि मधु नांवाचो. मद म्हळ्यार सुख. मद शब्दाचे अखेरीक आशिलें अ अक्षर जास्त सुखाचें निदर्शन करता. जो सुखाचं प्रतीक आसा, तोचि माधव जावनुं आसा.

**(७३). *मधुसूदनः* - जो मधु नांवाचे असुराक नाश करता, तो.**

मार्काण्डेय पुराणांतु मधु-कैटभ असुरांले संहाराचि कथा आसा, जी प्रतीक म्हण्णुं आमीं घेवचाक जाय. श्रीमन्नारायण जेन्नां योगनिद्रेंतु आशिलो तेन्नां तागेले कानांतले मळपासून दोन असुर - मधु आनी कैटभ - जन्माक आयले. जन्माक आयले कीं श्रीमन्नारायणाले नाभि कमलांतल्यान जन्म घेतिले ब्रह्मदेवावयर मारचाक धांवले. ब्रह्मदेवाले प्रार्थनेक लागून श्रीमन्नारायणालि योगनिद्रा आपण्यालो प्रभाव थोडे काळ क्षीण करता. जागे जालिलो भगवान ब्रह्मदेवाली दुर्दशा पोळोवनुं ते मधु-कैटभांलो संहार करता. देकून ताका मधुसूदन म्हणताचि.

हे कथेचो आध्यात्मिक विचार केल्यार दिसतालें की जेन्नां परमात्मालें योग सामर्थ्य सुप्तावस्थेंतु आसता तेन्नां असुरी शक्तिक आपण्यालो प्रभाव दुरुपयोग करचो संदर्भ मेळता. श्रीमन्नारायणान योगनिद्रेंतल्यान जाग जावचें म्हळ्यार भगवंतान आपण्यालें अवतार कार्य सुरु करचें अशें आसा.

*ईश्वरो विक्रमी धन्वी मेधावी विक्रमः क्रमः ।*
*अनुत्तमो दुराधर्षः कृतज्ञः कृतिरात्मवान् ॥ ९ ॥*

(७४). *ईश्वरः* - जो सर्वांलो स्वामी आसा, तो.

*"इच्छामात्रेण सकल जगत् उद्धारणक्षमः इति ईश्वरः ।"* केवल स्वतःचे इच्छेक लागून जगाचें संरक्षण आनी उद्धार करत आशिल्यान तो सर्वांलो ईश्वर जावनुं आसा. *"यो मामजमनादिं च वेत्ति लोकमहेश्वरम् । असंमूढः स मर्त्येषु सर्वपापैः प्रमुच्यते ॥"* (गीता. १०.३). जो परमात्मालें अनादि आनी अनंत रूपाचें स्मरण करताचि तंगेले सर्व पाप नाश जाता.

(७५). *विक्रमी* - जो केन्नांयी विजयी आसता, तो

त्रिविक्रम विष्णुलि महिमा ऋग्वेदांतु गायिली आसा. *"त्रीणि पदा वि चक्रमे विष्णुर् गोपा अदाभ्यः । अतो धर्माणि धारयन् ।"* (१.२२.१८) - *'अदाभ्यः'* म्हळ्यार अमर किंवा अजिंक्य असलो विष्णु *'धर्माणि'* म्हळ्यार जगाचे हितकारक कर्मांक *'अदाभ्यः'* आधारभूत जावनुं *'गोपाः'* म्हळ्यार जगाचें रक्षण करत आपण्यालें *'त्रीणि पदा विचक्रमे'* तीन पावलांनि पृथिवी *'धारयन्'* धारण करता. जग आनी जनांले हितास्वातीर कर्म करचें हेंचि धर्माचें लक्ष्य म्हण्णुं वेदवचन आसा. हेंचि पुण्यकर्म आसून ताजे विरुद्ध जावचें आचरण पापकर्म जावनुं आसा.

भगवंतान जेन्नां वामन-अवतारातुं आपण्याले तीन पादक्रमणान पृथिवी, अंतरिक्ष आनी स्वर्ग मापले तेन्नां ताका त्रिविक्रम म्हणचांतु आयलें. मनुष्याली प्राणशक्ति जेन्नां मनुष्य योग मुखांतर आपण्यालि प्राणशक्ति स्थूल, सूक्ष्म आनी कारण शरीरांतल्यान उर्ध्वदिशेन व्हरता तेन्नां तागेलि लक्ष्य भगवंताले सान्निध्य मेळोवचांतु आसता.

(७६). *धन्वीः* - जो धनुर्धारण करता, तो.

भारतीय धार्मिक परंपरेंतु भग हे शब्दांतु सामर्थ्य, सत्ता, अभिमान, तेज, शौर्य, स्थैर्य आनी आत्मविश्वासाचो संगम दागयलो आसा. भारतीय मनुष्य वास्तविक शक्ति उपासक आसता. ही शक्ति अमानुष सामर्थ्य नासताना जीवनाचे उत्कर्षाक आनी विकासाक उपयोजक असलें दैवी तेज उत्स्फूर्त करता.

धर्माचें उंच पातळीवयले मूल्यं संरक्षण करचें आसल्यार समाजांतु आनी मनुष्याले भितर आसचि धर्माचे विरुद्ध आसची असुरी वृत्ती दैवी शक्ति-तेजाचो उपयोग करनुं नाश करचें पडता. देकून भक्त देवाली प्रार्थना सुदर्शन चक्रधारी श्रीकृष्णाले किंवा धनुर्धारी श्रीरामाले रूपान *"सशक्तिकं आवहयामि"* म्हण्णुं करता.

(७७). *मेधावी* - जो जीवाले दर एक क्षण प्रेरित करत आसता, तो.

*"मेधते संगच्छते यमं इति ।"* जो जीवाले सहवासांतु सदा सर्वदा चलत आसता. अथर्ववेदांतु सांगल्या *"यस् तिष्ठति चरति यश्च वञ्चति यो निलायं चरति यः प्रतङ्कम् । द्वौ संनिषद्य यन्मन्त्रयेते राजा तद् वेद वरुणम् तृतीयः*

*॥"* (४.१६.२). - जेन्नां जांव उभ राबता, चलता किंवा वेव्हार करता, निदता किंवा जागता, जेन्नां दोन जन आप-आपसांतु उलयताचि तेन्नां तें सर्व देव जाणता, क्तियाक तर तोचि थंय आसचो तिसरो म्हण्णं समजका.

(७८)ः *विक्रमः* - जो उत्क्रमण करता, तो.

शंकराचार्य भाष्य करताचि, *"विचक्रमे जगद्विश्वं तेन विक्रमः ।"* - तीन जगाचे नित्य क्रमण करचो तो सूर्य आदित्य मंडळांतले हे श्रेष्ठ तेज श्री विष्णुले अविरत क्रियाशक्तिचें प्रतीक जावनुं आसा.

(७९). *क्रमः* - जो स्वतः साधन-मार्ग जावनुं आसा, तो.

परमात्मा साधन आनी साध्यबी आसा. *"क्रम्यते प्राप्यते अनेन"* - तागेले सहाय्यान मार्गक्रमण आनी अंतिम लक्ष्य प्राप्त जाता. अध्यात्म जीवनांतु क्रममुक्ति आनी सद्यमुक्ति हे दोन साधना-मार्ग आसताचि. क्रममुक्तिंतु जीवाक मुक्ति मेळोवचाक एका मागशीं एक साधन करचें पडता. सद्यमुक्तींतु एकमात्र श्री विष्णुलें चिंतन, मनन आनी निधिध्यासन करचें आसता. क्रममुक्तिंतु प्राणाचि ऊर्ध्वगति एक एक शक्तिचक्र शुद्ध करनुं सहस्रार चक्रांतु पावोवचि आसता तर सद्यमुक्तिंतु पयले पासूनचि शरीर निरपेक्ष करनुं परमावस्थेचो आनंद अनुभववचो आसता. वराह उपनिषदेंतु सांगल्यां *"द्वाविमावपि पन्थानौ ब्रह्मप्राप्तिकरौ शिवौ । सद्योमुक्ति पदश्चैकः क्रममुक्तिप्रदः परः ।"* (४.४२).

(८०). *अनुत्तमः* - जो सर्वांतु उत्तम आसा, तो.

*"मत्तः परतरं नान्यत्किंचिदस्ति धनंजय ।"* *"त्वमक्षरं परमं वेदितव्यं त्वमस्य विश्वस्य परं निधानम् ।"* (गीता.७.७ ; ११.१८) *"नास्ति नारायणसमं न भूतो न भविष्यति । एतेन सत्यवाक्येन सर्वर्थान् साधयाम्यहम् ॥"* - श्रीमन्नारायणासमान कोणींयी भूतकाळांतु जाले नांचि आनी भविष्यकाळांतुबी जावचे नांचि. हे सत्यवचनाचे आधारावयर हांवु मेगेले सर्व पुरुषार्थ साधता, म्हण्णु महाभारतांतु सांगल्या.

(८१). *दुराधर्षः* - कोणाक दाबून दवरचें शक्य आसना, तो.

श्रीविष्णूलें विश्वनिर्माण कार्य अविरत चलत आसून तें कोणियी राबवू शकनांचि. *"प्रकृतीं स्वामवष्टभ्य विसृजामि पुनः पुनः । भूतग्राममिमं कृत्स्नमवशं प्रकृतेर्वशात् ॥"* (गीता.९.८) विश्वनिर्मिती कालान सीमित केलिली क्रिया न्हंय. कालाचो स्वभाव अव्याहत न्हंयेतरेन व्हांवचो आसल्यारियी परमात्मा स्वतः कालातीत आशिल्यान तोचि सर्व कार्य तागेले नियंत्रणे सकयल अविरत चलत आसता. महाभारतांतु कालाचे निर्माण आनी विनाश शक्तिचें स्वरूप स्पष्ट करत आसताना कालापेक्षा श्रेष्ठ शक्तिचे अस्तित्वबी दाखयलें आसा. *"कालः पचति भूतानि कालः संहरते प्रजाः । कालः सुप्तेषु जाग्रति कालो हि दुरतिक्रमः ॥ . . . कालः पचति भूतानि सर्वाणि एवात्मानात्मनि । यस्मिन् तु पच्यते कालस्तां वेदेह न कश्चन ॥"*

(८२). *कृतज्ञः* - कोणाक केलिले सर्व कर्माचें ज्ञान आसता.

*"प्राणिनां पुण्यपुण्यात्मकं कर्म कृतं जानतीति कृतज्ञः"* म्हण्णुं श्री शंकराचार्यांले स्पष्टीकरण आसा. भगवंत सर्वज्ञ आशिल्यान संसारांतले दरएक कर्माचि जाण ताका आसता. आनी मनुष्याक आप-आपण्याले कर्माचे फल यथायोग्य मेळता.

(८३). *कृतिः* - जो साधन-स्वरूप आसता, तो.

भगवंत न केवल लक्ष्य किंवा सिद्धि नासताना साधनबी आसा. *"ईशावास्यमिदं सर्व यत्किंच जगत्यां जगत्"*. श्री विष्णु विश्वाचो कर्ता, कारण आनी कृति जावनुं आसा. कृतीचे पांच प्रकार आसताचि - सर्जन, स्थिती, संहार, विलय आनी अनुग्रह. सर्जन म्हळ्यार सृष्टीचि उत्पत्ति; स्थिती - सृष्टीचें संरक्षण; संहार - सृष्टीचो विनाश; विलय - सृष्टी परत भगवंताले स्वरूपांतु एक जावचें; अनुग्रह - भगवंतान ज्ञान प्रदान करचें.

(८४). *आत्मवान्* - **जो आपण्याले स्वरूपांतु आसता, तो.**

दर एक जीवांतु परमात्मा समाविष्ट जावनुं आसून जागृति, स्वप्न, सुषुप्ति आनी तुरिय हे चार अवस्थांतु तांका प्रेरित करता. जेन्नां मनुष्य हें जाणता तेन्नांचि ताका भगवंताले अपरोक्ष ज्ञान मेळ्ता.

*सुरेशः शरणं शर्म विश्वरेता प्रजाभवः ।*
*अहः संवत्सरो व्यालः प्रत्ययः सर्वदर्शनः ॥ १० ॥*

(८५). *सुरेशः* - **जो देवांलो देव आसा, तो..**

*"ब्रह्मरुद्ररमादिभ्योप्युत्तमत्वं स्वतंत्रताम् । सर्वस्य तदधीनत्वं सर्वसद्गुणपूर्णताम् ॥"* (श्री मध्वाचार्य - गीतातात्पर्य) - श्रीविष्णु ब्रह्मरुद्ररमापेक्षां श्रेष्ठ आनी स्वतंत्र आनी सर्व सद्गुणांनी परिपूर्ण आशिल्यान सर्व तागेले आधीन आसाचि. *"अद उ एव नारायणाख्यं अधिकं दैवतं । अन्यानि दैवतमात्राणि ।"* (श्री मध्वाचार्य - श्रीमहैतरेयोपनिषद्भाष्य) - **'अद उ' म्हळ्यार केवल श्रीमन्नारायण सवोत्तम देव आसा, विंगड सर्व दिव्य आशिल्यान देव** आसाचि.

(८६). *शरणं* - **कोणांक सर्व शरण गेल्लिले आसाचि, तो.**

*"सर्वोत्तमत्वविज्ञानपूर्वं तत्र मनः सदा । सर्वाधिकप्रेमयुक्तं सर्वस्यात्र समपणम् ॥ अखंडा त्रिविधा पूजा तदत्रैव स्वभावतः । रक्षतीत्येव विश्वासः तदीयोऽहमिति स्मृतिः । शरणागतिरेषा स्यात् विष्णौ मोक्षफलप्रदाता ।"* (श्री मध्वाचार्य - गीतातात्पर्यनिर्णय) - भगवंताले सर्वोत्तमत्व जाणून ताका सर्वाधिक प्रेमभावनेन आनी भक्तिन सर्वस्व समर्पण करचें, फलाचि अपेक्षा कर नासताना तागेले बयले प्रितीन निरंतर काया-वाचा-मनान पूजा करचि, श्री विष्णूचि आपण्यालें रक्षण सदा करतालो म्हळ्ळे विश्वास आसचो, आपूण परमात्मालो दासानुदास म्हळ्ळें निरंतर स्मरण - हाकाचि शरणागति म्हणताचि.

(८७). *शर्म* - **जो सर्वांले शांतिस्थान आनी निधान आसा, तो.**

भगवंताक शरण गेल्लिले मनुष्याक सतःचें स्वरूप समजिल्यान आपूण स्व-स्थानाक पाविलो समाधान आनी शांति मेळ्ता.

(८८). *विश्वरेता:* - **जो विश्वाचे बींय किंवा रेतस्वरूप आसा, तो.**

विश्वनिर्मितीचें कारण, परम तत्व, *'भुवनस्य रेतः'* साक्षात् परमात्मा आसा. *"मम योनिर्महद् ब्रह्म तस्मिन् गर्भं दधाम्यहम् । . . . अहं बीजप्रदः पिता ।"* (गीता. १४.३) *"यो योनीं योनीं अधिष्ठाय एको विश्वानि रूपाणि योनिश्च सर्वः । ऋषीम् प्रसूतं कपिलं यस्तां अग्रे ज्ञानैर् बिभर्ति जायमानं च पश्येत् ॥"* (श्वेताश्वतरोपनिशद. ५.२). परमात्मा दर एक गर्भांतु आपण्यालें वास्तव्य प्रस्थापित करनुं विश्वांतु अनेक रूपं धारण करता.

(८९). *प्रजाभवः* - कोणाले कारणाक लागून प्रजेचि उत्पत्ति जाता, तो.

*"सहयज्ञाः प्रजाः सृष्ट्वा"* - भगवंतान यज्ञासयत प्रजेचि सृष्टी केलि. पुरुष सूक्तांतु यज्ञास्वातिर पुरुषान स्वतःक हविरूपान अर्पण केलें. हे तरेन सृष्टीचे निर्माण आनी नियमन कार्यांतु यज्ञाचें महत्व दाखयलें आसा.

(९०). *अहः* - जो दिवस आसा, तो.

काळ्याचो आविर्भाव दिवस-रात्र, प्रकाश-काळोख, ज्ञान-अज्ञान, सत्य-असत्य हे तरेन जाता. विश्वाचो आविर्भावाक दिवस आनी तिरोभावाक रात्र म्हणताचि. हे अहोरात्रिचे भ्रमणांतु दैवी आनी असुरी प्रवृत्ती आनी संघर्ष

चलत आसता. श्री विष्णु प्रकाशाचो प्रतीक आशिल्यान विश्वनिर्मितीचे कार्यक्रमांतु अह -.दिवसाचे स्थान पथप्रदर्शन करता.

### (९१). *संवत्सरः* - जो काल रूपान संसारांतु वावुरता, तो.

भौतिक द्रिश्टीन एक वर्ष म्हळ्यार सूर्यान पृथ्वीचें प्रदक्षिण घालचो काल समय ; आध्यात्मिक द्रिश्टीन संवत्सर श्रीविष्णुलो कालस्वरूप आसून मनुष्याले जीवन अंशरूपान सोंपयता. *"कालोस्मि लोकक्षयकृत प्रवृद्धो लोकान् समाहर्तुमिह प्रवृत्तः ।"* श्री मध्वाचार्य काल शब्दावयर भाष्य करताना म्हणताचि *"कालशब्दः जगद्बंधनछेदनज्ञानादिसर्वभगवद्धर्मवाची । कलबंधने कलछेदने कलज्ञाने कलकामधेनुः इति पठंति । प्रसिद्धश्च स शब्दः ।"* काल शब्दांतु श्रीविष्णुले निर्माण आनी नियंत्रण कार्याचे स्वरूप दिसून येता. देकून काल म्हळ्यार श्रीविष्णु आनी संवत्सर तागेलें अंश. पूर्णत्व आनी अंशांतु फरक नासता आनी स्वयंचेयि तरेचो फरक पोळेवचें हें अज्ञानाचें लक्षण जावनं आसा. वास्तविक श्री विष्णु कालातीत आशिल्यान काल तागेले आधीन आसता.

### (९२). *व्यालः* - जो शेष, अनंत किंवा हस्तितरेन असीम आनी अतिशक्तिमान् आसा, तो.

श्री शंकराचार्य *"व्यालवत् दुराधर्षः आनी गजवत् गृहीतुमशक्यत्व"* म्हण्णुं दोन अर्थ दिताचि. हांतूत गूढ अर्थ आसा. व्याल म्हळ्यार नाग किंवा सर्प, जे आपण्याली पोरणीं चामडी सोडनुं नवी चामडी धारण करत आपण्यालें अनंतत्व, अविनाशित्व जाहिर करताचि. अनंत आनी शेष हे शब्दांचो मूळ अर्थ अंत नाशिलो आनी जें कांय अखेरिक आसता तें म्हण्णुं आशिल्यान नाग किंवा सर्पाक हें नांव दिवनुं श्री विष्णु बरोबर संबंध बांदचें उचित आसा. तेचि तरेन भगवंत हस्तितरेन सामर्थ्यवान् आसा.

### (९३). *प्रत्ययः* - जो स्वतः ज्ञानस्वरूप आसा, तो.

अपरोक्ष ज्ञान प्राप्त जाले उपरांत मनुष्याक जी स्थिती अनुभववचांतु येता, तिका प्रत्यय अवस्था म्हणताचि. ताकाचि मुक्ति हे दुसरें नांव - *"मुक्तिर्नैजसुस्वानुभूति". श्री मध्वाचार्य सांगताचि "स्वर्णकारो यथास्वर्णमलमग्नौ निहत्य च । शुद्धेन तेन चामिष्टं कुरुते रूपमंजसा ।। एवं तु भगवान्विष्णुजीवस्वर्णस्य यन्मलं । अविद्याकामकर्माद्यमात्माग्नौ नाश्य सर्वकृत् ।। स्वेच्छया कुरुते रूपं यद्योग्यं तस्य मुक्तिगम् । अल्पतेजस्तथा चाल्पं जीवरूपं हि संसृतौ । तथैव सुमहत्तेजः करोति भगवान्महत् ।।"* - जे तरेन सोनार भांगर उज्यांतु तापोवनुं आनी शुद्ध करनुं जाय तें रूप दिता तेचि तरेन मनुष्याले अविद्या, काम, कर्मदोष आत्म्याचे उज्यांतु नाश करनुं जीवांक मुक्तियोग्य स्वरूप दिता.

जीवांलि संसारांतलि अल्परूप शक्ति आनी तेज परमात्मा मुक्तिंतु वाढयता. हे तरेन श्री मध्वाचार्य जीवाले स्वरूपदेहाचें, प्रत्ययीभावाचें वर्णन करताचि. हाकाचि मुक्तिभावबी म्हणयेत.

मुक्तिचे स्वरूप *सालोक्य, सामीप्य, सारूप्य* आनी *सायुज्य* हे तरेन आसता. *'सालोक्य'* मुक्तींतु अंतरिक्ष, स्वर्ग, महर्लोक, जनलोक, तपलोक किंवा सत्यलोकांतु राबून भक्त भगवंताले दर्शन घेत आपण्याले स्वरूपानंद अनुभव घेता. *'सामीप्य'* मुक्तींतु भक्त उपासनेन आपण्याले कर्मफलांचो भोग घेवनुं श्री हरीले लागी राबून सर्वदोषरहित अनुभव घेता. *'सारूप्य'* मुक्तींतु भक्त परमात्मा तरेन शरीर प्राप्त करता. आनी *'सायुज्य'* मुक्तींतु भक्त श्री हरीले हातान ग्रहण करता, श्री हरीले दोळ्यान पळयता, श्री हरीले पायान चलता. परमात्मा ज्ञानस्वरूप आशिल्यान प्रत्ययीभावाक आनी मुक्तिक हे तरेचो लागीचो संबंध आसता.

### (९४). *सर्वदर्शनः* - जो सर्वकांय पळयता, तो.

*"सहस्रशीर्षा पुरुषः सहस्राक्षः सहस्रपात् ।"* हे ऋग्वेदांतले वचनांतु किंवा *"सर्वतःपाणिपादं तत्सर्वतोऽक्षिशिरोमुखम् ।"* गीतेंतले हे वर्णनेंतु सहस्र अनेक किंवा सर्वदर्शी-सर्वव्यापी म्हण्णुं अर्थ जाता.

*अजः सर्वेश्वरः सिद्धः सिद्धिः सर्वादिरच्युतः ।*
*वृषाकपिरयेमात्मा सर्वयोगविनिःसृतः ।। ११ ।।*

(९५). *अजः* - **कोणाक जन्म ना, तो.**

*"न जातो न जनिष्यते"* (ऋ.१.९१.५). *"अजोऽपि सन्नव्ययात्मा भूतानामीश्वरोऽपि सन् । प्रकृतीं स्वामधिष्ठाय संभवाम्यात्ममायया ॥"* (गीता.४.६) - अविनाशी आनी सर्व प्राणिजीवांचो स्वामी आसूनबी हांवु प्रकृतीक ताब्यांतु दवरनुं स्वशक्तीन प्रकट जाता. भगवंत जे तरेन *'अ-ज'* म्हळ्यार अजन्मा आसा तशें तो *'अजः'* - प्रेरकबी आसा. देकून तो *"अग्निर्वाग्भूत्वा मुखं प्राविशत्, वायुः प्राणो भूत्वा नासिके प्राविशत्, आदित्यश्चक्षुर्भूत्वाऽक्षिणी प्राविशत्, दिशः श्रोत्रं भूत्वा कर्णौ प्राविशत् . . .* " (ऐतेरेय उपनिषद २.४) अग्नि रूपान तोंडांतु, वायुरूपान नांकांतु, आदित्यरूपान दोळ्यांतु आनी दिशारूपान कानांतु प्रवेश मनुष्यांक प्रेरित्त करता.

(९६). *सर्वेश्वरः* - **जो सर्वांलो स्वामी आसा, तो.**

श्री विष्णु सर्वांक प्रभावित करत्त आशिल्यान तो समस्त भूतसमुदायेचो प्रभु किंवा स्वामी आसा. तेचि तरेन तो सर्वांलो अंर्यामी आसा. *"परस्तस्मात्तु भावोऽन्योऽव्यक्तोऽव्यक्तात्सनातनः । यः स सर्वेषु भूतेषु नश्यत्सु न विनश्यति ॥"* *"द्वाविमौ पुरुषो लोके क्षरश्चाक्षर एव च । क्षरः सर्वाणि भूतानि कूटस्थोऽक्षरमुच्यते ॥ . . . यस्मात् क्षरमतीतोऽहमक्षरादपि चोत्तमः । अतोऽस्मि लोके वेदे च प्रथितः पुरुषोत्तमः ॥"* (गीता.८.२० आनी १५.१६,१८).

(९७). *सिद्धः* - **जो प्रवीण किंवा पूर्ण आसा, तो.**

परमात्मान कांयी प्राप्त करचें नाशिल्यान ताका कर्माचें किंवा साधनेचें कर्तव्य ना. *"न मे पार्थास्ति कर्तव्यं त्रिषु लोकेषु किञ्चन । नानवाप्तमवाप्तव्यं वर्त एव च कर्मणि ॥"* (गीता. ३.२२). तागेले देह प्राकृत नाशिल्यान ताका पूर्णत्व प्राप्त करचें पडना. *"अवजानन्ति मां मूढा मानुषीं तनुमाश्रितम् ।"* (गीता.९.११). हें सत्य मूर्ख जन जाणनांचि आनी तागेले शरीर हेंचि तागेलें स्वरूप म्हण्णुं समजता. सिद्धी साधनेन, रस-औषधान, ईश्वरीकृपेन आनी सहजभावनेन प्राप्त जाता. श्री विष्णु स्वयंसिद्ध आनी स्वयंसाक्षि आशिल्यान हे स्वंयचेयी मार्ग ताका साधचे आवश्यक ना.

(९८). *सिद्धिः* - **जो स्वतः पूर्णत्वाचें फल जावनुं आसा, तो.**

भगवंत आनी तागेलि सिद्धी हांतूत भेदभाव नाशिल्यान तोचि तागेले सिद्धीचें फल जावनुं आसा.

(९९). *सर्वादि* - **जो सर्वांले पयले आसा, तो.**

*"पुरुष एवेदं सर्वं यद् भूतं यच्च भव्यम् । को अद्धा वेद क इह प्र वोचत्कुत आजाता कुत इयं विसृष्टिः अर्वाग्देवा अस्य विसर्जनेनाऽथा को वेद यत आबभूव ॥"* (ऋ.१०.१२९.६) - सर्व देवां पयलें श्रीम्नानारायण आशिले तेन्नां कोणियी तागेले विशय कितें उलोंव शक्ताले ? बृहदारण्यकांतले *"आत्मैवेदमग्र आसीत्"* हे मंत्रावयर भाष्य करताना श्री मध्वाचार्य श्री विष्णूचि तो प्रप्रथम देव म्हण्णुं स्पश्टायताचि. *"इदमग्रे एतस्याग्रे परमात्मैवासीत् । ततः पुरुषविधो ब्रह्मासीत् । पुरुषो विष्णुः ।"*.

(१००). *अच्युतः* - **जो सर्वकाल आपण्याले पदावयर अविचल आसता, तो.**

*"पूर्णमदः पूर्णमिदं पूर्णमिदमुच्यते । पूर्णस्य पूर्णमादाय पूर्णमेवावशिश्यते ॥"* तो सर्वव्यापी श्री विष्णु पूर्ण आशिल्यान तागेलें अढळ आनीं अचल परम पद जाणचाक ज्ञानी जन तत्पर आसताचि. *"तद्विष्णोः परमं पदं सदा पश्यन्ति सूरयः । दिविव चक्षुराततम् ॥"* (ऋ.१.२२.२०).

(१०१). *वृषाकपिः* - **जो भक्तांलि इच्छा पूर्ण करता, धर्म आनी हविरूपान दिलिलें जल स्वीकार करता, तो.**

वृषाकपि शब्दाचो अर्थ महाभारतांतु *"कपिर्वराहः श्रेष्ठश्च धर्मश्च वृष उच्यते । तस्माद् वृषाकपिं प्राह कश्यपो मां प्रजापतिः ॥"* जो श्रेष्ठ आसून धर्माचे महत्व वाढयता म्हण्णुं केलिलो आसा. *"वर्षणात् सर्वकामानां धर्मो वृषः ।"* धर्माचे विरुद्ध नाशिले मनुष्याले सर्व कामना पूर्ण करता म्हण्णुं तो वृष म्हळ्यार *"वर्षति सिंचति इति ।"*. आनी कपि म्हळ्यार *"कं जलं पिबति इति ।"*. सूर्यकिरणांचे माध्यमांतल्यान उदाक शोषण करनुं ते परत पावसाचे रूपान सिंचन करता. *"विष्णुर्गोपा अदाभ्यः । अतो धर्माणि धारयन् ॥"* हे तरेन परमात्मा धर्माचे पालन आनी पोशण करता म्हण्णुं ऋग्वेदांतु (१.२२.१८) सांगल्यां.

ऋग्वेदांतु (९.६४.१) *"वृषा धर्माणि दधिषे ।"* - सोमदेव देवांक आनी मनुष्यांक हितकारक असलो धर्म धारण करता म्हण्णुं सांगल्या. हे तरेन सोम देव परमात्म्यालो अंशरूप आसा हें स्पश्ट जाता. देकून सर्वकामना परिपूर्ण करचे श्री विष्णूले साधने स्रातीर ज्ञानी जन प्रयत्न करताचि. *"सूर्यद्वारेण ते विरजाः (ज्ञानी जन) प्रयान्ति यत्रामृतः ।"* (मुंडक उपनिषद २.११).

(१०२). *अमेयात्मा* - कोणालें रूप मापचाक जायना, तो.

कोणालेंयी माप घेवचें आसल्यार माप काडतालो मनुष्य, माप घेवचि प्रमाण पद्धत, मापचि क्रिया आनी माप काडचि वस्तु हे सर्व प्रस्तुत आसचाक जाय. *"न तत्समोऽस्त्यभ्यधिकः कुतोऽन्यो लोकत्रयेऽप्यप्रतिमप्रभाव ।"* जेन्नां परमात्मा समान, तागेले पेक्षा श्रेष्ठ दुसरे कोणियी नाशिले तेन्नां ताका मापचें कशें शक्य जाताले म्हण्णुं गीता (११.४३) विचारता. *"एकमेवाद्वितीयं तत् नेह नानास्ति किंचन ।"* - परमात्मा एकचि अद्वितीय आशिल्यान ताजे तसले दुसरे कोणींयी नांचि.

(१०३). *सर्वयोगविनिसृतः* - जो सर्वांपासून निर्लेप आनी निःसंग आसा, तो.

*"संगं फलस्नेहं त्यक्त्वा तत एव सिद्धसिद्धोः समो भूत्वा । स एव च मयोक्तो योगः ।"* (गीता तात्पर्य) - संग म्हळ्यार जो फलाचि आसक्ति सोडनुं, सिद्धी मेळी-ना मेळी, हांतूत समभावना दवरनुं मेगेलि भक्ति करचाक योग म्हणचांतु येता. परमात्माक फलाचि आशा नाशिल्मान ताका साधनेचि अवश्यक्ता ना. *"न मे पार्थास्ति कर्तव्यं त्रिषु लोकेषु किञ्चन न नानावाप्तमवाप्तव्यं वर्त एव च कर्मणि ॥"* (गीता.३.२२). तरियी तो लोकसंग्रहास्रातीर कर्म करता. तेचि तरेन मनुष्यान आपण्याले कर्तव्याचरण करका, ही भावना हांगा आसा.

*वसुर्वसुमना सत्यः समात्मा सम्मितः समः ।*
*अमोघः पुण्डरीकाक्षो वृषकर्मा वृषाकृतिः ॥ १२ ॥*

(१०४). *वसुः* - जो सर्वांतु निवास करनुं आसा, तो.

*"ईशावास्यं इदं सर्वं"* - हें सर्व श्री विष्णुन व्यापिलें आसा. किंवा *"आच्छादयति सर्वं वासयति वसति च सर्वत्र इति वासुः । देवशब्दार्थः उक्तः पुरस्तात् । छादयामि जगद्विश्वं भूत्वा सूर्य इवांशुभिः । सर्वभूतादिवासश्च वासुदेवस्ततोस्म्यहं ॥"* (श्री मध्वाचार्य -गीताभाष्य) म्हण्णुं सांगून आपण्याले वासुदेव स्वरूप दाखोवचांतु आयल्यां.

(१०५). *वसुमनाः* - कोणाले मन व्यापक आनी प्रशस्त आसा, तो.

*"वसुशब्देन धनवाचिना प्राशस्त्यं लक्ष्यते । प्रशस्तं मनो यस्य सः वसुमनाः"* म्हण्णुं श्री शंकराचार्यांनि व्याख्या केलिली आसा. स्थूल प्रकृतीचो स्पर्श ना जालिल्यान श्री विष्णूलि शक्ति स्वाभाविक रीतीन सुप्तावस्थेंतु आसता जी जप

*"सत्यं ज्ञानमनन्तं ब्रह्म ।"* (तैत्तिरीय उपनिषद.२.१). *"सदिति प्राणस्तीत्यन्नं यमित्यसावादित्यः ।"* (ऐतरेय उपनिषद.१.५). प्राण, अन्न आनी सूर्य हे स्वरूपान श्री विष्णु परिपूर्ण आसा.

सत्य, धर्म आनी ऋत - परमात्माले हे स्वरूपाचें दर्शन मोक्ष प्रदान करता. पुण परमात्मालें हे सत्यस्वरूपाचि ज्ञान सामान्य मनुष्यांक नाशिल्यान ते धर्म आनी ऋतापासून वंचित आसताचि. आपण्यालें कर्म करालें, धर्म आनी अधर्म ह्यांचें संदर्भ हेंचि तो जाणना. (गीता.२.२८). पूरान उज्जो आनी धूंवेन आससो झांकिले तरेन मोहाचे प्रभावान ताका भगवंताचें निजस्वरूपाचें आनी परमात्मज्ञान दृष्टीक पडना. *"दैवी ह्येषा गुणमयी मम माया दुरत्यया । मामेव ये प्रपद्यन्ते मायामेतां तरन्ति ते ॥"* (गीता.७.१४). कारण परमात्मालि माया (शक्ति) कठीण आसून सर्व जगाक मोहांतु घालता.

देखून सत्यावयर चलचो मनुष्य सदाकाल प्रार्थना करता, *"हिरण्मयेन पात्रेण सत्यस्यापिहितं मुखम् । तत् त्वं पूषन्नपावृणु सत्यधर्माय दृष्टये ॥"*. *"पात्रं हिरण्मयं सूर्यमण्डलं समुदाहृतम् । विष्णोः सत्यस्य तेनैव सर्वदाऽपिहितं मुखम् ॥ तत् पूर्णत्वात् पूषा विष्णुः दर्शयति स्वयम् । सत्यधर्माय भक्तस्य . . . ।"* हिरण्मय पात्र म्हळ्यार सूर्यमण्डल आनी तत्र श्री विष्णु जावनुं आसा म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य सांगताचि. सूर्यमण्डलाचे प्रकाशांतु तागेलें स्वरूप झांकिलें आसता. ते स्वरूप श्री विष्णूचि भक्तांस्तातीर दाखयता.

(१०७). *समात्मा* - **कोण सर्व प्राणिजातींतु एकसमान आसा, तो.**

*"अहं सर्वस्य प्रभवो मत्तः सर्वं प्रवर्तते ।"* - हांवु सर्वांलो उत्पन्नकर्ता आसा किंवाक तर मेगेलेपासूनचि सककांद निर्माण जाल्यां. *"समोऽहं सर्वभूतेषु न मे द्वेष्योऽस्ति न प्रियः ।"* - सर्व प्राणिंवयर समभाव दवरिल्यान ताका कोणेंदी शत्रु किंवा प्रिय ना म्हण्णुं गीतेंतु श्री कृष्ण परत परत सांगत आसता.

*"एकमूर्तिः चतुर्मूर्तिरथवा पंचमूर्तिकः । द्वादशादिप्रभवो वा पूज्यते सज्जनैर्हरिः ।"* (श्री मध्वाचार्य - तात्पर्यनिर्णय) - सात्विक जन केवल श्रीमन्नारायण स्वरूपांतु, किंवा वासुदेव-संकर्षण-प्रद्युम्न-अनिरुद्ध हे चतुर्स्वरूपांतु, किंवा हांचे बरोबर नारायण रूपही मेळोवनुं पंच स्वरूपांतु किंवा केशव-नारायण-माधव-गोविंद-विष्णु-मधुसूदन-त्रिविक्रम-वामन-श्रीधर-हृषीकेश-पद्मनाभ-दामोदर-संकर्षण-वासुदेव-प्रद्युम्न-अनिरुद्ध-पुरुषोत्तम-अधोक्षज-नारसिंह-अच्युत-जनार्दन-उपेन्द्र-हरि-कृष्ण हीं बारा थांवांनि प्रभावित जालिले स्वरूपांतु श्री हरीलें पूजन करता. वास्तविक सकळांनी नावांनि आनी स्वरूपांतु नमस्कार केल्यारिवी तो नमस्कार श्री विष्णूकचि पावता. *"येऽप्यन्यदेवता भक्ता यजन्ते श्रद्धयान्विताः । तेऽपि मामेव कौन्तेय यजन्त्यविधिपूर्वकम् ॥* (गीता.९.२३)".

(१०८). *संमितः* - **जो सर्व जीवांतु समान रीतीन व्याप्त जावनुं आसा, तो.**

*"सर्वभूतस्थमात्मानं सर्वभूतानि चात्मनि ।"* (गीता.६.२९) म्हळ्यार *"सर्वभूतस्थं आत्मानं परमेश्वरं । सर्वभूतानि च आत्मनि परमेश्वरे । तं च परमेश्वरं ब्रह्मतृणादौ ऐश्वर्यादिना साम्येन पश्यति ।"* (श्री मध्वाचार्य - गीताभाष्य) - *'सर्वभूतस्थं'* म्हळ्यार सर्व जीवजंतूंत आशिले *'आत्मानं'* - परमेश्वराक, सर्व जीवजंतु *'आत्मनि'* - परमात्मांतु, ज्ञानी मनुष्य चतुर्मुख ब्रह्मापासून यःकश्चित तृणांतु आसचे जीवांतु भगवद्रूप समसमान पळयता. तेचि तरेन *'सर्वभूतस्थित'* म्हळ्यार सर्व प्राणींतु आशिले - *"एकत्वं आस्थितः सर्वत्र एक एव ईश्वरः इति स्थितः ।"* (श्री मध्वाचार्य - गीताभाष्य). *"सर्वत्र एक एव नारायणः स्थितः इति एकत्वेन । पृथक्त्वेन सर्वतो वैलक्षण्येन । बहुधा हि तस्य रूपं आमनंति ।"* (गीताभाष्य) - *'एकत्वेन'* म्हळ्यार चेतनाचेतन वस्तूंतु सर्व तरेन आसचो परमात्मा एकचि आसा, *'पृथक्त्वेन'* म्हळ्यार ते सर्व वस्तु पेक्षां परमात्मा भिन्न आनी विलक्षण आसा हे भावनेन ज्ञानी मनुष्य तागेले रूप *'बहुधा'* - अनेक रीतीन ध्यान करताचि.

(१०९). *समः* - **जो सर्वकाल एकसमान आसा, तो.**

भगवंत सूक्ष्म वस्तूंत आसल्यारिवी आपण्वाले विराट स्वरूपापासून तो विचलित जायना. तेंचि तरेन विश्वमय आसूनवी तो विश्वातीत आसा. हे तरेन विभिन्न आसूनवी तागेल्ये समभावाक विषमता येना. तो योगयुक्तत्वा समदर्शन आसता. *"समोऽहं सर्वभूतेषु न मे द्वेष्योऽस्ति न प्रियः ।"* *"समं सर्वेषु भूतेषु तिष्ठन्तं परमेश्वरम् ।"*. *"एकः समोऽप्यखिलदोषसमुज्झितोऽपि सर्वत्र पूर्णगुणकोऽपि बहूपमोऽभूत् ।"* (महाभारत तात्पर्य निर्णय).

**(११०). *अमोघः* - जो येव्रांयी निष्फल जायना, तो.**

परमात्मा सदासर्वदा ज्ञान आनी शक्तिचो भाण्डार आशिल्यान ताका *'सत्यक्रमः सत्यसंकल्पः'* म्हण्णुं उल्लेख करपांतु येता. स्वंय व्यर्थ आशा, व्यर्थ कर्म, व्यर्थ ज्ञान आशिले अज्ञानी मनुष्य आसताचि तेंचि राक्षसी आनी असुरी वृत्तीक लागून मोहमायेन प्रभावित जाताचि. ते अमोघ असले परमात्म भावने पासून वंचित आसताचि.

**(१११). *पुण्डरीकाक्षः* - जो अंतःकरणांतले पुण्डरीक - धव्वे कमलांतु आसा किंवा कोणाले दोळे कमलातरेन आसाचि, तो.**

महाभारतांतु उल्लेख आसा : *"पुण्डरीकं परं धाम नित्यमक्षयमव्ययम् । तद् भावात् पुण्डरीकाक्षो दस्युत्रासात् जनार्दनः ॥"* - काळजांतले धव्वे कमल हे जनार्दनाले नित्य, अक्षय, अव्यय, परम धाम आसा. ताजें ध्यान केल्ल्यान दस्यु - दुश्ट वासना नाश जाता.

देकून *"अपवित्रः पवित्रो वा सर्वावस्थां गतोऽपि वा । यः स्मरेत् पुण्डरीकाक्षं स बाह्याभ्यन्तरः शुचिः ॥"* (वामन पुराण). *"अथ यदिदमस्मिन् ब्रह्मपुरे दहरं पुण्डरीकं वेश्म । दहरोऽस्मिन्नंतराकाशः । तस्मिन् यदंतः तदन्वेष्टव्यं । तद्वाव विजिज्ञासितव्यं इति ।"* (छांदोग्य उपनिषद.८.१). - हे शरीरांतु हृदयकमलाकारेन आशिले घरांतु पूर्णगुण आनी पूर्णकाम आशिल्ले परमात्मा निवास करता. ते घरांतु सान आकाश आसा. ते आकाशांतु किदें आसा, ताजें मनन करका.

**(११२). *वृषकर्मा* - कोणालें कर्म धर्मरूप आसा, तो.**

*'रामो विग्रहवान् धर्मः'* म्हण्णुं वाल्मिकी ऋषी वर्णन करता. वास्तविक जगांतले सर्व कर्म परमात्माले प्रेरणेक लागूनचि आसताचि. देकून परमात्मांतु आनी तागेले कर्मकरपांतु भेद ना. एक द्रिस्टीन पळयल्यार तागेलें कर्म म्हळ्यार तागेलें धर्म जावनुं आसा. आनी धर्म हेचि परमात्म स्वरूप आसा. गीतेंतु श्री कृष्ण *"प्रत्यक्षावगमं धर्म्यं"* म्हण्णुं शब्द वापरता. श्री मध्वाचार्य भाष्य करताचि, *"प्रत्यक्षंब्रह्म अवगम्यते येन तत् प्रत्यक्षावगमं । अक्षेषु इन्द्रियेषु प्रति प्रति स्थितः इति प्रत्यक्षः । . . . धर्मः भगवान् । तद्विषयं धर्म्यं । सर्वं जगत् धत्ते इति धर्मः ।"* - ब्रह्माचे ज्ञान प्राप्त जावचेंचि *'प्रत्यक्षावगम'* कारण सर्व इन्द्रियांवयर नियामक आशिले परमात्माक *प्रत्यक्ष* म्हणताचि. . . सर्व जगाचे धारण करता म्हण्णुं ताका *धर्म* म्हण्णुं संबोधन करताचि. तागेलें ज्ञान हेंचि *धार्म्य* आसा.

**(११३). *वृषाकृतिः* - जो मूर्तिमंत धर्मस्वरूप आसा, तो.**

कोणाले धार्मिक संकल्पांतु आनी धार्मिक कर्म-करपांतु भेद आसना. तो वस्तुतः धर्मस्वरूपचि आसता.

*रुद्रो बहुशिरा बभ्रुर्विश्वयोनिः शुचिश्रवाः ।*
*अमृतः शाश्वतस्थाणुर्वरारोहो महातपाः ॥ १३ ।*

**(११४). *रुद्रः* - जो सुफल दिता किंवा दुष्कर्म नाश करता, तो.**

रुद्र हें नांव ऋग्वेदांतु शक्तीचें प्रतीक आसा. रुद्राले संबंध अग्नि आनी झंझावत वायु बरोबर सृजनशील सामर्थ्य आनी संहाराचो देव म्हण्णुं आसा. कल्पांतरान असभ्य आनी अशुभ संस्कारांचे संहारानंतर अंतर देवचे शांतीचे प्रतीक म्हण्णुं शिव नांव वापरपांतु आयलें. पौराणिक काळांतु तो त्रिमूर्तिंतले शंकर जाल्ये. पुण एक विभूतीचो संबंध दुसरे देवाबरोबर दाखयल्ये म्हण्णुं ते दोग्गी देव समसमान आसाचि म्हण्णुं मानचें अनुचित आसा. गीतेंतु *'रुद्राणां*

*शङ्करास्मि', 'सेनानीनामहं स्कन्दः', 'देवर्षीणां च नारदः', 'पाण्डवानां धनञ्जयः'* म्हणताना ते दोगंयी सम समान आसाचि म्हण्णुं न्हंय तर ते देवांतु भगवंतालो अंश आसा म्हण्णुं दाखोवचे खातीर.

श्री विष्णु सहस्रनामांतले असले अनेक शब्दाचि व्युत्पत्ति लक्षांतु घेवनुं यथार्थ करका. लिंगपुराणांतु रुद्र शब्दाचो अर्थ दुःख दूर करचि शक्ति म्हण्णुं आसा. *"रुर्दुःखं दुःखहेतुं वा विद्रावयति स प्रभुः । रुद्र इत्युच्यते तस्माच्छिवः परमकारणम् ॥"* - शिवस्वरूप, म्हळ्यार कल्याणदायक आदि-पुरुष जो दुःखाचे सर्व कारणं दूर करता तो रुद्र आसा. विनाशानंतर शुभ, शांति आनी कल्याण हें सर्व रुद्र प्रदान करता. रुद्र-शक्ति मनुष्यांतले भितरली पार्थिवता, तृष्णादि वासना नाश करता. देकून रुद्र हें परमात्मालेंचि शुभ आनी शिव स्वरूप अंश आसा.

(११५). *बहुशिराः* - **कोणाक अनेक शिर आसाचि, तो.**

परमात्माले *सहस्रशीर्षा पुरुषः* हें अनंतवाची नांव प्रख्यात आसून तो *विश्वतोमुखि* रूपान पूजचांतु येता. *"न अन्तोऽस्ति मम दिव्यानां विभूतीम् ।"* (१०.४०). *"येऽप्यन्यदेवता भक्ता यजन्ते श्रद्धयान्विताः । तेऽपि मामेव कौन्तेय यजन्त्यविधिपूर्वकम् ॥"* (गीता.९.२३). देकून श्री विष्णुलीं सर्व नांवं तागेले समस्त वैभव विस्तारान वर्णन करूं शकनांचि.

(११६). *बभ्रुः* - **जो पोषण करता, तो.**

मनुष्याले अस्तित्व तागेले स्वतःचे शक्तिवयर अवलंबून नासताना, उत्पत्ति आनि विनाशाचे मध्यंतरचें रक्षण करचें कार्य विंगडचि एक अलौकिक शक्ति आसता. मनुष्यालो जन्म आनी मरण हें विंगड कांयी नासताना शरीराचे निर्माण आनी विनाशाक लागून जावचें बाह्य रूपांतर. शरीरावयले वस्त्र बदलर्ले म्हण्णुं शरीर बदलना ; शरीर बदलर्लें म्हण्णुं शरीरांतलो आत्मा बदलना. ज्ञानी मनुष्य आंगावयले वस्त्रं बदलिल्यान जे तरेन आपण्याले शरीर बदलना म्हण्णुं जाणता, तेंचि तरेन आपण्यालें शरीर बदलिल्यान आपण्याले आत्माक आतंक येता म्हण्णुं मानना. तो मृत्युक भीयेना. ताका जुर्ण जालिले वस्त्रं त्याग करनुं नवीं वस्त्र धारण केलिलो उत्साह आनी आनंद मेळ्ता. देकून तो मृत्युक भियेना. ज्ञानी मनुष्याक विश्वास आसता कीं तागेली आत्मशक्ति केन्नांयी नाश जायना. ती नित्य आसून भगवंताले नदरे सकयल वाड्टा.

(११७). *विश्वयोनिः* - **जो विश्वाचे उगमस्थान आसा, तो.**

ऋग्वेदांतु वाक् आंभृणीलें आत्माक उद्देशून सूक्त आसा. *वाक् आंभृणी* ही श्रीलक्ष्मी आसून तिगेले हें विधान महत्वाचें आसा - *"अहं सुवे पितरमस्य मूर्धन्मम योनिरप्स्वंतः समुद्रे ।"* - प्रजापति ब्रह्माक जन्म दिवचे तिगेलें उगमस्थान (योनि) समुद्रांतु आसा म्हण्णुं सांगून अनंत सागरांतु विराजमान आशिले श्रीमन्नारायणादिकान ती संकेत करता. श्री विष्णूचि विश्वाचो प्रजापति आसून तोचि प्रकृतींतु (श्रीलक्ष्मींतु) आपण्याले रेत दवरता - *"तासां ब्रह्मयोनिरहं बीजप्रदः पिता ।"* (गीता.१४.४).

(११८). *शुचिश्रवाः* - **कोणांले नामश्रवण पवित्र आसा, तो.**

भगवंताले दरएक नांव पवित्र आनी पुण्यश्लोक आसा. ईश्वराले स्वंयचेयी नांवांचें उच्चारण, स्मरण आनी कीर्तन भक्तिचें श्रेष्ठ साधन आसा. *"अस्य जानन्तो नाम चिद्विवक्तन: महस्ते विष्णो सुमतिं भजामहे ।"* (ऋ.१.१५६.३) विष्णुलें नावांतलो अर्थ समजून संकीर्तन केल्यार वाक्, प्राण आनी मनांतलि अशुद्धि दूर जाता आनी शरीरांतले सर्व अवयव शुद्ध-पवित्र जाताचि. श्रद्धा, तत्परता आनी एकाग्र चित्ताचे साधकाक श्रुतिपरायण म्हणताचि. भगवंताले चिंतन केलिल्यान पापी अजमेळ्लें पातक जळ्नुं गेलि. परिक्षित मुक्त जालो. वाल्या कोळी वाल्मिकी ऋषी जालो. देकून श्री कृष्ण म्हणता *"नाहं वसामि वैकुंठे योगिनां हृदये रवौ । मद्भक्ता यत्र गायन्ति तत्र तिष्ठामि नारद ॥"*

(११९). *अमृतः* - जो अमर आनी अविनाशी आसा, तो.

जन्म नाशिले भगवंताक मरण स्वंयचान येताले ? श्री मध्वाचार्य महाभारत तात्पर्यनिर्णयांतु विचारताचि *"कालाच्च देशगुणतोऽस्य न चादिरन्तो वृद्धिक्षयौ न तु परस्य सदातनस्य ।" "जायते नैव कुत्रापि म्रियते कुत एव तु । न वध्यो मुह्यते नायं बध्यते नैव केनचित् । कुतो दुःखं स्वतंत्रतस्य नित्यानंदैकरूपिणः ॥"*

(१२०). *शाश्वतस्थाणुः* - जो सदा नित्य आनी स्थिर आसा, तो.

सृष्टी निर्माण जावचे पयलें केवल श्री विष्णु आपण्याले उत्कृष्ट गुणांनी परिपूर्ण, नित्य, स्वतंत्र, सर्वापेक्षा श्रेष्ठ आनी नियामक आशिलो. जीव आनी जगत् प्रादुर्भाव जावचे पयलें तागेले उदरांतु सशांत समाविश्ट आशिले. परमात्माचि हे अस्वतंत्र जीवांलें कल्याणास्वातीर सृष्टीचि रचना करनुं तांका एक साधन आनी सुसंधी म्हण्णुं सृष्टीचि आनी मनसष्य शरीराचि निर्मिती करता. सृष्टी आनी शरीर कालोचित आसून बदलत आसल्यार परमात्मा नित्य, अटळ, अढळ आनी कालातीत आसता. *"दृष्ट्वा स चेतनगणान् जठरे शयानान् आनंदमात्रवपुषः सृतिविप्रमुक्तान् । ध्यानं गतान् सृतिगतांश्च सुषुप्तिसंस्थान् ब्रह्मादिकान् कलिपरान् मनुजांस्तथैक्षत् ॥"* (श्री मध्वाचार्य - महाभारत तात्पर्यनिर्णय)

श्रीमद्भागवतांतु सांगिल्ले तरेन *"द्रव्यं कर्म अ कालश्च स्वभावो जीव एव च । वासुदेवात् परो ब्रह्मन् न चान्योऽर्थोस्ति तत्वतः । . . . कालं कर्म स्वभावं च मायेशो स्वया । आत्मन् यदृच्छया प्राप्तं विबुभूषुरुपाददे ॥ . . . वर्षपुगसहस्रान्ते तदण्डमुदकेशयम् । कालकर्मस्वभावस्थो जीवोऽजीवमजीवयत् ॥"* - वास्तविक वासुदेवाशिवाय विंगड कांयी अस्तित्व ना. तोचि अनेक रूपं धारण करनुं सुप्तावस्थेंतु आशिले काल, कर्म, स्वभावांक सृजनशील करता.

श्री मध्वाचार्य नारद पुराणांतलो उतारो दीवनुं सागताचि *"पर्वताः सिकताश्चैव नद्यः कूपाः सरांसि च । हविःकपालयूपाद्या देवता एव सर्वशः । तत्तन्नामैव नामैश्यां भिन्नानामभिमानतः । नामानि तान्यपि हरेः स हि सर्वगुणाधिकः ॥"* (बृहदारण्यकोपनिषद्भाष्य). पर्वत, नदी, बांय, सरोवर हीं सर्व परमात्माचि आसून अभिमानी देवांले नांवं धारण करता. देकून हीं सर्व नांवं प्राधान्यतेन श्री हरीकचि संबोधन करताचि. परमात्मा एकलोचि नित्य, स्थित आनी शाश्वत आसा.

(१२१). *वरारोहः* - जो परम पद किंवा श्रेष्ठ स्थानावयर बशिलो आसा, तो.

*वर* म्हळ्यार श्रेष्ठ आनी *आरोह* म्हळ्यार वयलें स्थान. *"ईश्वरः सर्वभूतानां हृदयेऽर्जुन तिष्ठति । भ्रामयन् सर्वभूतानि यंत्रारूढानि मायया ॥"* (गीता.१८.६१). मनुष्याले साधनेस्वातीर तागेले हृदय श्रेष्ठ स्थान आसून सर्व विश्वाचे अधिपत्य करत नियंत्रण परमात्मा करता. *"सर्वेषां च हरिर्नित्यं नियंता तद्वशाः परे ।"*

श्री विष्णुलि परमोच्च स्थानाचें दर्शन घेवचाक ज्ञानी मनुष्य सदा तत्पर आसताचि - *"तद्विष्णोः परमं पदं सदा पश्यन्ति सूरयः । दिवीव चक्षुराततम् ॥"* (ऋग्वेद.१.२२.२०). कारण *"एतावानस्य महिमाऽतो ज्यायाँश्च पूरुषः । पादोऽस्य विश्वा भूतानि त्रिपादस्यामृतं दिवि ॥"* (ऋ.१०.९०.३).

(१२२). *महातपाः* - जो श्रेष्ठ विचारवंत आसा, तो.

*"तप संताप इति ; तप आलोचना इति"* (श्री मध्वाचार्य). पुण भगवंत तापता किंवा संताप करता म्हणचें योग्य न्हंय. *"तप्त आलोचनायुक्तस्तस्मात् कार्यार्थकामना । तप्तता तु हरेरुक्ता कुतो दुःखं हरेः प्रभोः ॥"* (श्री मध्वाचार्य - बृहदारण्यकोपनिषद्भाष्य). तप्त म्हळ्यार कार्य परिपूर्ण करचे स्वातीर श्री हरीन केलिली आलोचना. सदांलो स्वामी जावनुं आशिले ताका कसलो संताप आसतालो ?

तो *महातपः* आसा. कित्याक तर ताणें गंभीर विचार केलो म्हण्णुं सृष्टी, प्राणिजीवन इत्यादि निर्माण जालें. भगवंतान स्वतःक यज्ञांतु अर्पण केलिल्यान सृष्टी आनी इतर विषय निर्माण जाताचि. *"ऋतं च सत्यं अभिद्धात् तपसो अध्यजायत ।" (ऋग्वेद.१०.१९०.१)*

*सर्वगः सर्वविद्भानुर्विष्वक्सेनो जनार्दनः ।*

*वेदो वेदविदव्यङ्गो वेदाङ्गो वेदवित् कविः ॥ १४ ॥*

(१२३). *सर्वगः* - **जो सर्व बाजून गतिशील आसा, तो.**

श्री विष्णु सर्वव्यापी इतलेंचि न्हंय तर सर्व संचारीबी आसा. *"त्रीणि पदा वि चक्रमे विष्णुर् गोपा अदाभ्यः । अतो धर्माणि धारयन् ॥"* (ऋग्वेद). *"हृदयस्थः सदा विष्णुर्बहुधा चैकधा भवन् । चरति स्वेच्छयैवान्तः सर्वजीवान् नियामयन् ॥"* (श्री मध्वाचार्य - मुण्डकोपनिषद्भाष्य).

(१२४). *सर्वविद् भानुः* - **जो सर्व जाणचो सूर्य आसा, तो.**

श्री विष्णु सूर्याले स्पान सर्व सृष्टी संचार करनुं सर्व जाणता इतलेंचि न्हंय तर स्वंय काळोख आसा थंय प्रकाश पसरायता. ज्ञानाचे प्रकाशानचि अंधःकाराचें अज्ञान नाश जाता. वास्तविक सूर्याक अंधःकाराचि जाणचि नाम कित्याक तर स्वंय सूर्य आसता थंय अंधःकाराक आस्पाव नासता.

*"तच्छुभ्रं ज्योतिषां ज्यौतिः तदयदात्मविदो विदुः ॥"* (मुण्डकोपनिषद.४.१२). सामान्य मनुष्याक श्री विष्णुलीं पृथ्वीवयरचि आनी अंतरिक्षांतली पावलं मात्र दिसचें साध्य आसा. स्वर्गलोकांतलें तिसरें पावूल केवल ज्ञानी जन पळयताचि. *"द्वे इदस्य क्रमणे स्वदृशोऽभिरव्याय मर्त्यो भुरण्यति । तृतीयमस्य नकिरा दधर्षति वयश्चन पतयन्तः पतत्रिणः ॥"* तें तिसरे पावुल ज्ञानी मनुष्यांकवी तागेले इच्छानुसार प्राप्त जाता. *"यमेवैष वृणुते तेन लभ्यः ॥"* (कठोपनिषद).

(१२५). *विश्वक्सेनः* - **जो विश्वकल्याणा खातीर सदा सज्ञ आसता, तो.**

लोककल्याणाखतीर परमात्मा कर्म करचाक उत्सुक आसता. कारण जर ताणें कर्म केलें ना तर हें विश्व अज्ञानांतूचि बावुरतालें. *"यद्यदाचरति श्रेष्ठस्तत्तदेवेतरो जनः । स यत्प्रमाणं कुरुते लोकस्तदनुवर्तते ॥ . . यदि ह्यहं न वर्तेयं जातु कर्मण्यतन्द्रितः । मम वर्त्मानुवर्तन्ते मनुष्याः पार्थ सर्वशः ॥ उत्सीदेयुरिमे लोका न कुर्यां कर्म चेदहम् । सङ्करस्य च कर्ता स्यामुपहन्यामिमाः प्रजाः ॥"* (गीता.३.२१-२३-२४) हाकाचि लागून श्री कृष्णान गीतेंतु दिलिलें आश्वासन यथार्थ जाता - *"परित्राणाय साधूनां विनाशाय च दुष्कृताम् ।"*. तेचि तरेन *"अनन्याश्चिन्तयन्तो मां ये जनाः पर्युपासते । तेषां नित्याभियुक्तानां योगक्षेमं वहाम्यहम् ॥"*. *"यो मां पश्यति सर्वत्र सर्वं च मयि पश्यति । तस्याहं न प्रणश्यमि स च मे न प्रणश्यति ॥"*.

(१२६). *जनार्दनः* - **जो स्वतः अजन्मा आसून जीववंक संसारांतल्यान सुटकारो दिता, तो.**

श्री मध्वाचार्य जनार्दन शब्दाचो अर्थ *"न जायते अर्दयति च संसारं इति जनार्दनः । . . . स भूतः स जनार्दनः इति ह्यासीत् स नासीत् सोऽर्दयति । इति ॥"* (गीताभाष्य) - जन्माक येत नाशिल्यान अनादि आनी जीवांक संसारांतल्यान सुटकारो दिता म्हण्णुं जनार्दन.

श्री शंकराचार्य हे शब्दाचो अर्थ दोन तरेन करताचि. *"जनान् दुर्जनान् अर्दयति हिनस्ति, नरकादीन् गमयतीति वा जनार्दनः । जनैः पुरुषार्थम् अभ्युदयानिःश्रेयसलक्षणं याच्यत इति जनार्दनः ॥"* - जो दुष्ट जनांक शिक्षा दीवनुं नरकाक धाडता किंवा कोणाक जन अभ्युदय आनी श्रेयाखातीर प्रार्थना करताचि, तो.

हे दोन्निंयी अर्थांतु श्री कृष्णान गीतेंतु दिलिले आश्वासनांचो प्रतिसाद मेळता. *"अनन्याश्चिन्तयन्तो मां ये जनाः पर्युपासते । तेषां नित्याभियुक्तानां योगक्षेमं वहाम्यहम् ॥"* (९.२२) *"सर्वधर्मान्परित्यज्य मामेकं शरणं व्रज । अहं त्वा सर्वपापेभ्यो मोक्षयिष्यामि मा शुचः ॥"* (१८.६६).

## (१२७). *वेदः* - जो वेदांचे मुखांतर जाणचांतु येता, तो.

वेद हे अनंत इतलेंचि न्हंय तर अनादि आनी नित्यबी आसाचि. देकून तांका *अक्षर* म्हणताचि आनी ॐ शब्द मूळाक्षर आशिल्यान ताजें स्थान श्रीमन्नारयणांले अंतःकरणांतु येवजुवचांतु येता. वेद हे परमात्माले हृदयाचें स्पंदनांतल्यान उत्स्फूर्त जालिले शब्दब्रह्म आसाचि. *"निःश्वसितशब्दस्तुअक्लेशाभिप्रायः नाबुद्धिपूर्वाभिप्रयः"* - वेद भगवंताले निश्वास म्हळ्यार परब्रह्मान श्वासोच्छ्वास केल्लिले तरेन प्रयासाशिवय केल्लिलें कार्य, म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य सांगताचि.

भागवत पुराणांतु चतुर्मुख ब्रह्माले मुखांतर सांगचांतु आयल्यां *"यदास्य नाभ्यान्नलिनाद् अहमासं महात्मनः । नाविंदं यज्ञसम्भारान् पुरुषावयवाद् ऋते ॥ तेषु धज्ञस्य पशवः सवनस्मतयः कुशाः । . . . ऋचो यजूंषि सामानि चातुर्होत्रं च सत्तम ।"* - परमपुरुषाले नाभिकमलांतल्यान जन्माक आयलो तेन्नां यज्ञ करचाक, प्राणि, वनस्पति, वेद आनी मंत्र हीं सर्व ते पुराण पुरुषाले तागेले अवयवांतल्यानचि घेतले. देकून वेद आनी वेदांचे मुखांतर जाणचांतु येवचो परमात्मा दोन्निंयी समसमान आसा.

## (१२८). *वेदवित्* - जो सर्व वेदांक जाणता, तो.

*"वेदैश्चसर्वैरहमेव वेद्यो वेदांतकृद्वेदविदेव चाहं ।"* (गीता.१५.१५) - सर्व वेदांतल्यान जाणचांतु येवचो वेदान्त निर्माण जावचो एकचि आसा. श्री मध्वाचार्याले अभिप्रायांतु वेदांत ब्रह्मसूत्र आसून - *"वेदनिर्णायात्मिका मिमांसा वेदांतः"* - ताजो कर्ता वेदव्यास श्री विष्णूचि आशिल्यान तो *वेदवित्* आसा.

## (१२९). *अव्यंगः* - कोणांले अवयवांतु वक्रता ना, तो.

परामात्मा पूर्णस्वरूप आसून तागेले स्वंयचेयी अवयवांतु वक्रता ना. श्री मध्वाचार्य महावराह पुराणाचो उल्लेख दिवनुं अनित्यता, शरीरहानि, दुःखप्राप्ति आनी अपूर्णतता हे चार प्रकाराचे दोश दाखयताचि, जे परमात्मांतु नांचि. *"नाशश्चतुर्विधः प्रोक्तः तदभावो हरेः सदा । तदन्येषां तु सर्वेषां नाशाः केचिद् भवन्ति हि । देशतः कालश्चैव गुणतश्च त्रिधा ततिः । सा समस्ता हरेरेव न ह्यन्ये पूर्णसद्गुणाः ॥"* - सर्वदेश, सर्वकाल आनी सर्वगुणपूर्ण हे तीन प्रकारान श्री विष्णु व्याप्त आसा. विंगड कोणियी ते तरेन नांचि.

## (१३०) *वेदाङ्गः* - कोणांले अवयंव वेद जावनुं आसाचि, तो.

भगवंताले *प्रत्यक्ष* आनी *तिरोहित* हे तरेन दोन स्वरूपं आसताचि. *"द्विविधं वैभवं रूपं प्रत्यक्षं च तिरोहितम् । कपिलव्यासऋषणाद्यं प्रत्यक्षं वैभवं स्मृतम् ॥ भिन्नं ब्रह्मादिजीवेभ्यो जडेभ्यश्चापि तद्गतम् । स्वजात्याधिक्यदं तेषां तत्तिरोहितवैभवम् ॥"* (श्री मध्वाचार्य - गीतातात्पर्य). परमात्माले दशावतार प्रत्यक्ष किंवा पूर्णावतार आसून विंगड सर्व तिरोहित स्वरूपाचे म्हण्णुं मानका. वेद आनी वेदाङ्ग हे परमात्माले तिरोहित स्वरूपं आसाचि.

## (१३१). *वेदवित्* - जो वेदमुखांतर जाणचांतु येता, तो.

वेद आनी वेदाङ्ग श्री विष्णूले माहात्म्य प्रतिपादन करत आशिल्यान तांगेले मुखांतरचि तागेले वैभवाचें दर्शन जाता. *"वेदा ब्रह्मात्मविषयास्त्रिकाण्डविषया इमे । परोक्षवादा ऋषयः परोक्षं मम च प्रियम् ॥ शब्दब्रह्म सुदुर्बोध प्रणेन्द्रियमनोमयम् । अनंतपारं गम्भीरं दुर्विगाह्य समुद्रवत् ॥ . . . किं विधत्त किमाचष्टे किमनूद्य विकल्पयेत् । इत्यस्था हृदय लोके नान्यो मद् वेद कश्चन ॥ मां विधत्तऽभिधत्ते मां विकल्प्यापाह्यते त्वहम् । एतावान् सर्ववेदार्थः शब्द आस्थाय मां भिदाम् ॥ मायामात्रमनूद्यान्ते प्रतिषिद्ध्य प्रसीदति ॥"* (११.२१) - कर्म-ज्ञान-अध्यात्माचे मुखांतर ब्रह्म आनी आत्मांतले संबंध वेद दाखयता. केवल ऋषी तांतूतलो यथार्थ समजू शक्ताचि ; सामान्य जीवांक वेद समजनाशिल्यान तांगेलि वाट चूक्ता.

**(१३२). कविः - जो इन्द्रियातीत साक्षात्कारी पुरुष आसा, तो.**

मनुष्याले शरीरातरेन परामात्माक **प्राकृतिक शरीर** ना. *"अतिपरिपूर्णतम-ज्ञान-ऐश्वर्य-वीर्य-आनंद-श्रीशक्त्यादिमांश्च भगवान् ।"* भगवंताले शरीर ज्ञान, ऐश्वर्य, वीर्य, आनंददि गुणांनि परिपूर्ण आसा, म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य वर्णन करतांचि. तो *"अनादिमध्यांतमनंतवीर्यं"* *"सहस्रलक्षामितकांतिकांतं"* आसा. ब्रह्मवैवर्तपुराणांतु *"देहोऽयं मे सदानंदो नायं प्रकृतिनिर्मितः । परिपूर्णश्च सर्वत्र तेन नारायणाऽस्यहं ॥"* - तागेलें शरीर सदानंदरूपाचें आसा, प्रकृतिनिर्मित न्हंय. सर्व परिपूर्ण आशिल्यान तो नारायण आसा. देकून असलें स्वरूप दर्शन सामान्य प्राकृतिक दोळ्यान जावचें नां म्हण्णुं श्री कृष्ण अर्जुनाक दिव्य दृष्टी दिता - "न तु मां शक्यसे द्रष्टुमनेनैव स्वचक्षुषा । दिव्यं ददामि ते चक्षुः पश्य मे योगमैश्वरम् ॥" (गीता.११.८).

*लोकाध्यक्षः सुराध्यक्षो धर्माध्यक्षः कृताकृतः ।*
*चतुरात्मा चतुर्व्यूहश्चतुर्दंष्ट्रश्चतुर्भुजः ॥ १५ ॥*

**(१३३). *लोकाध्यक्षः* - जो विश्वाचो नियामक आसा, तो.**

*"परित्राणाय साधूनां विनाशाय च दुष्कृताम् । धर्मसंस्थापनार्थाय संभवामि युगे युगे ॥"* पुण दर एक समय भगवंताले अवतरण पूर्णस्वरूपांतु जावचें आवश्यक ना. दर एक मनुष्यांतले अंतःकरणांतु निवास करनुं आसचो तो किंचित् तेजान जीवांक प्रेरित करनुं आपण्यालें कार्य सर्जन करता. पुण प्रभावित जावचे माध्यमाचि क्षमतेंतु तारतम्य आशिल्यान ते मूल तेज जरी अभिन्न आसा तरी प्रभावित जावचे माध्यमाक लागून कार्याचे फलांतु फरक दिसू शक्ता. परमात्मा स्वतः कार्याध्यक्ष आसून जीव केवल दूत आशिल्यान जीव जीवांतलि तारतम्य जाणनुं जगांतु प्रत्यक्षांतु येवचे कार्यांचें परिशीलन करका. जगांतलें सर्व कार्य परमात्मा नियामक आनी अध्यक्ष म्हण्णुं प्रेरित करता. *"मयाध्यक्षेण प्रकृतिः सूयते सचराचरं । हेतुनानेन कौंतेय जगद् विपरिवर्तते ॥"* (गीता.९.१०).

**(१३४). सुराध्यक्ष - जो देवांलो अधिपति जावनुं आसा, तो.**

भागवत पुराणांतु सांगल्या : *"वैकारिकान्मनो जज्ञे देवा वैकारिका दश । दिग्वातार्कप्रचेतोऽश्विवह्नीन्द्रोपेन्द्रोमित्रकाः ॥"*- देव हे परमात्माले अनंततेजाचे अंश आशिल्यान तो सर्व देवांलो स्वामि. *"सर्वज्ञ ईश्वरतमः स च सर्वशक्तिः पूर्णाव्ययात्मबलचित्सुखवीर्यसारः । यस्याज्ञया रहितमिंदिरया समेतं ब्रह्मेशपूर्वकमिदं न तु कस्य चेशम् ॥"*(श्री मध्वाचार्य : महाभारत तात्पर्यनिर्णय) - देकून नियमन करचे लक्ष्मीब्रह्मादी देवांलोबी नियामक ; सर्वसमर्थ, परिपूर्ण, नाशरहित, स्वरूपभूत आसून बल, ज्ञान, आनंद, वीर्यान सर्वश्रेष्ठ ; तागेलि आज्ञा जाल्ले शिवाय देव स्वयंयी कार्य करूं शकनांचि.

**(१३५). *धर्माध्यक्ष* : जो धर्मांचें नियंत्रण करता, तो.**

*"यदा यदा हि धर्मस्य ग्लानिर्भवति भारत । अभ्युत्थानमधर्मस्य तदात्मानं सृजाम्यहम् ॥"* धर्मावयर अवकळा आयल्को परमात्मा अवतार धारण करता. वेदांतु धर्मांचि केलिली आसा. *"वेदप्रणिहितो धर्मो ह्यधर्मस्तद्विपर्ययः । वेदो नारायणः साक्षात्स्वयंभूरिति शुश्रुम ॥"* (भागवत पुराण). धर्मांचें मूल साक्षात् श्रीमन्नारायण आसा. *"धर्ममूलं हि भगवान्सर्ववेदमयो हरिः । स्मृतं च तद्विदां राजन्येन चात्मा प्रसीदति ॥"* (भागवत पुराण). परमात्मा धर्मांचो प्रवर्तक आनी नियामक आसा.

**(१३६). *कृताकृतः* - जो कार्य आनी कारण आसा, तो.**

सर्व सृष्टीक कारणपुरुष श्रीमन्नारायण आसून ही सृष्टी तागेलो संकल्पूचि कार्यरूपान प्रगट जाता. जीव-जगत् प्रगट जावचाक परमात्माली इच्छा आनी क्रियाशक्ति कारणीभूत आसा. तागेले तेजाक लागूनचि सर्व जीव-जगत् आप-आपणाले तेज प्रकाशित करतांचि. *"तमेव भांतमनुभाति सर्वं तस्य भासा सर्वमिदं विभाति ।"* (कठोपनिषद). केवल

परमात्मा स्वतंत्र आसून जीव-जगत् अ-स्वतंत्र आनी परमात्माले आधीन आसाचि. *"एवं कारणभूतोऽसौ भगवान् पुरुषोत्तमः । प्रधानश्च स्वतंत्रश्च तन्मूलमखिलं जगत् ॥ तदाधारं विमुक्तौ च तदधीनं सदास्थितम् । स सूक्ष्मो व्यापकः पूर्ण तदीयमखिलं जगत् ॥"* (श्री मध्वाचार्य - गीतातात्पर्य).

**(१३७). *चतुरात्मा* – जो चार तरेन प्रभावित जालिलो आत्मा आसा, तो.**

विश्वनिर्माण कार्यांतु तो चार चार अंशरूपान प्रकाशिता. चतुर्मुख ब्रह्मा, दक्ष, काल आनी समस्त जीवगणाचे रूपान विश्व संचालनाखातीर श्री जनार्दनाले विभूति जावनुं आसाचि म्हण्णुं विष्णु पुराणांतु सांगल्यां.

**(१३८). *चतुर्व्यूहः* - जो चार तरेन प्रगट जावनुं आसा, तो.**

श्री विष्णु नित्य जीवांक मोक्ष दिवचे खातीर नारायणरूपान, सृष्टी निर्माण करचे खातीर प्रद्युम्नरूपान, सृष्टी पालन करचे खातीर अनिरुद्धरूपान आनी संहार करचे खातीर संकर्षण रूपान प्रगट जाता. *"व्यूहयात्मानं चतुर्धा वै वासुदेवादिमूर्तिभिः । सृष्ट्यादीन् प्रकरोत्यष विश्रुतात्मा जनार्दनः ॥"*

**(१३९). *चतुर्दंष्ट्रः* - जो चार तरेन दृष्टीक पडता, तो.**

*"चत्वारि श्रृङ्गा त्रयो अस्य पादा द्वे शीर्षे सप्त हस्तासो अस्य । त्रिधा बद्धोवृषभो रोरवीति महो देवो मर्त्यां आ विवेश ॥"* (ऋ.४.५८.३). यज्ञाचे चार शिंगं - चार वेद, तीन पाय - दर दिवस करचे तीन यज्ञ, दोन शिर - ब्रह्मोदन आनी प्रवर्ग्य, सात हात - वेदमंत्रांतले सात छंद, तीन बंधन - मंत्र कल्प आनी ब्राह्मण, गंभीर अवाज - वेदमंत्रांचो उच्चार जावनुं आसाचि. श्री विष्णु साधनेचे संबंधान विचार करताना हेचि चार शिंगं - चार दिशा, तीन पाय - संध्या, मध्यान्ह आनी सायंकाळ, दोन शिर - दिवस आनी रात्र, सात हात - वाराचे सात दिवस, तीन बंधनं - पृथ्वी, आकाश आनी स्वर्ग, गंभीर अवाज - अभिष्ट वस्तूंचो वर्षाव, हे तरेन सायणाचार्यं भाष्य करताचि.

**(१४०). *चतुर्भुजः* - कोणाक चार हात आसाचि, तो.**

श्री विष्णुलें वर्णन *"किरीटिनं कुण्डलीनं चतुर्भुज पीताम्बरं वक्षसि लक्षितं श्रिया ।"* म्हण्णुं करचांतु येता. अर्जुनबी विराट स्वरूपाचे भयान श्री कृष्णाक "किरीटिनं गदिनं चक्रहस्तमिच्छामि त्वां द्रष्टुमहं तथैव । तेनैव रूपेण चतुर्भुजेन सहस्रबाहो भव विश्वमूर्ते ॥" (गीता.११.४६) म्हण्णुं प्रार्थना करता.

> भ्राजिष्णुर्भोजनं भोक्ता सहिष्णुर्जगदादिजः ।
> अनघो विजयो जेता विश्वयोनिः पुनर्वसुः ॥ १६ ॥

**(१४१). *भ्राजिष्णुः* - जो तेजस्वी आसा, तो.**

जेन्नां विश्व लय जाता तेन्नां सर्व उन्मेश पाविले तेजाचे अंश जे तरेन प्रकाशाची किरणं परत प्रकाशांतुंच मेळ्ताचि ते तरेन परमात्माले व्यक्त जालिली सृष्टी श्रीमन्नारायणाले नित्य, अव्यय, अद्वितीय, निर्विशेष आनी निराकार असले मूळ स्वरूपांतु समावेश जाता, जें *'ज्योतिषामपि तज्ज्योतिस्तमसः परमुच्यते ।'* म्हण्णुं गीतेंतु वर्णन केल्यां.

**(१४२). *भोजनं* - जो स्वतः स्वतःचो अविष्कार आसा, तो.**
**(१४३). *भोक्ता* - जो स्वतः स्वतःचे अविष्काराचो अनुभव घेता. तो.**

ईश्वरी अविष्काराचो आनंदाचो अनुभव ईश्वरी पातळी वयरीचि जाता. तो आनंदाक तुलना ना. देखून भोजन आनी भोक्ताबी तोचि आसता. *"अहं सर्व यज्ञानां भोक्ता प्रभुरेव च ।"* म्हण्णुं गीतेंतु सांगल्यां. हे विषय श्री मध्वाचार्य स्पश्ट करताचि, *"सर्व एतत् ब्रह्मेति उच्यते तदधीनसत्ताप्रतीतित्व त् । न तु रूपत्वात् ॥"* (गीताभाष्य) . . . "इदं

*विष्णमेव यज्ञ इत्युपासते । स्वभोग्यत्वात् स्वयमेव यज्ञः । ब्रह्माख्याग्नौ क्रियायज्ञं तेनैव यज्ञाख्येन विष्णुना समर्पयन्ति ।"* (गीतातात्पर्य).

(१४४). *सहिष्णुः* - **जो सर्व सहन करता, तो.**

परम्परागत योगविज्ञानावयर अवकळा येवनुं अधर्म वाढल्यारियी, यज्ञांतलो हविर्भाग परमात्माक अर्पण करतासताना अहंकारान असुरी वृत्तीचे जनांनि स्वार्थासातीर वापरल्यारियी तें सर्व भगवान थोडे काळ सहन करता. पुण जेन्नां अधर्माचो प्रमाण वाढता तेन्नां *परित्राणाय साधूनां विनाशाय च दुष्कृतान्,* ज्ञान आनी सधर्म परत प्रस्थापित करचाक परमात्मा अवतार धारण करता.

(१४५). *जगदादिजः* - **जो हिरण्यगर्भ रूपान सृष्टीचें मूल स्थान आसा, तो.**

परब्रह्मालो विश्वनिर्मितीचे पयलावयलें प्रादुर्भाव हिरण्यगर्भरूपान जाता. *"हिरण्यगर्भः समवर्तताग्रे भूतस्य जातः पतिरेक आसीत् ।"* (ऋ.१०.१२१.१). *"पुरुषं शाश्वतं दिव्यमादिदेवमजं विभूम् ।".* उत्कृष्ट गुणांनि पूर्ण आनी अथांग सागरतरेन विशाल, अप्रमेय तो श्रीमन्नारायण श्रेष्ठां पेक्षां श्रेष्ठ परमात्मा आसा - *"आसीदुदारगुणवारिधिरप्रमेयो नारायणः परतमः परमात् स एकः ।"*

(१४६). *अनघः* - **जो पापकर्मान स्पर्श जालिलो ना, तो.**

*'अपहतपाप्मा'* (छांदोग्य उपनिषद. ८.१) - तो पापविहीन. *"नादत्ते कस्यचित्पापं न चैव सुकृतं विभुः ।"* सर्वव्यापी परमेश्वर कोणांलेंयी पाप किंवा पुण्य घेना . . . *"यथा सर्वगतं सौक्ष्म्यादाकाशं नोपलिप्यते । सर्वत्रावस्थितो देहे तथात्मा नोपलिप्यते ॥"* - जे तरेन सर्वव्यापी आकाश सूक्ष्म आसूनबी स्वंयचेयी तरेन कलंकित्त जायना, ते तरेन सर्व शरीरांतु आसचो परमात्मा कलंकित्त जायना. (गीता. १३.३३).

(१४७). *विजयः* - **जो सदा सर्वदा जयशील आसता, तो.**

जय-पराजय, लाभ-हानि, उत्थान-पतन सदाकाळ जावचाकचि संसार म्हणताचि. पुण भगवान आशिले थंय केन्नांयी विजय आसता. हे जो जाणना ताजो तसलो मूर्ख आनी अज्ञानी विंगड कोणिंयी नांचि. सर्व गीता आयकूनबी ज्ञान मेळिले नाशिले धृतराष्ट्रान युद्धांतु जय कोणांक मेळ्तालो म्हण्णुं विचारले कीं हताश जालिलो संजय उद्गार काडता, *"यत्र योगेश्वरः कृष्णः यत्र पार्थो धनुर्धरः । तत्र श्रीर्विजयो भूतिर्ध्रुवा नीतिर्मतिर्मम ॥"* (१८.७८).

(१४८). *जेता* - **जो स्वभावतः सर्वांवयर जीतता, तो.**

जे तरेन सूर्य आशिले थंय अंधःकार आसना, ते तरेन भगवंत आशिले थंय पराजय आसना. जय आनी यश हे भगवंताले स्वाभाविक गुणधर्म आसाचि.

(१४९). *विश्वयोनिः* - **जो विश्वाचे जनन-स्थान आसा, तो.**

विश्वाचे मूल स्थान श्रीमन्नारायणालें उदरांतु आसता आनी तें तागेले संकल्प शक्तीक लागून निर्माण जाता. *"एतद्योनीनि भूतानि सर्वाणित्युपधारय । अहं कृत्स्नस्य जगतः प्रभवः प्रलयस्तथा ॥"* (गीता.७.६) म्हण्णुं श्री कृष्ण सांगता.

(१५०). *पुनर्वसुः* - **जो परत परत शरीरांतु निवास करचो परमात्मा आसा, तो.**

निर्मिती-स्थिती-लय हें अनंतकाळपासून चलत आयिलें कालचक्र आसा. *"अनादित्वान्निर्गुणत्वात्परमात्मायमव्ययः । शरीरस्थोऽपि कौन्तेय न करोति न लिप्यते ॥"* (गीता.१३.३२). शरीर हें

अनित्य साधनमात्र आसून तांतू भगवंतान निवास केलिल्यान मनुष्याक चैतन्य मेळ्ता. *"अविनाशी तु तद्विद्धी येन सर्वमिदं ततं । विनाशमव्ययस्यास्य न कश्चित् कर्तुमर्हति ।।"* (गीता.२.१७).

**उपेन्द्रो वामनः प्राशुंरमोघः शुचिरूर्जितः ।**
**अतीन्द्रः संग्रहः सर्गो धृतात्मा नियमो यमः ।। १७ ।।**

**(१५१). *उपेन्द्रः* - जो मित्ररूपान इन्द्रालागींचि आसता, तो.**

उपेन्द्र म्हळ्यार इन्द्रपेक्षां कमीचे श्रेणीचो म्हण्णुं न्हंय. उप हाजो अर्थ लागीचो म्हण्णुं जाता, जे तरेन उप-निषद म्हळ्यार लागी बसचें आसा. श्री विष्णु इन्द्रालो लगींचो, सखा म्हण्णुं ऋग्वेदांतु उल्लेख परत परत जालिलो आसा. इन्द्र जेन्नां सुर-असुराले, प्रकाश-काळोखाचे मदलें संघर्षांतु इन्द्राक सामर्थ्य आनी साहाय्य विष्णुकडचान मेळ्ता. देकून विष्णु उपेंन्द्र आसा - उप म्हळ्यार लागिंचो उपेन्द्र आसा.

इन्द्र मनाचो अभिमानी देवता. आनी इन्द्राकचि पयलें प्रथम ब्रह्मज्ञान प्राप्त जाता. *"इन्द्रोऽतितरामिवान्यान्देवान्स ह्येनन्नेदिष्टं पस्पर्श स ह्येनत्प्रथमो विदांचकार ब्रह्मेति ।।"* (केन उपनिषद) - *"न संदृशे तिष्ठति रूपमस्य न चक्षुषा पश्यति कश्चिदेनं । हृदा मनीषा मनसाऽभिक्लृप्तो म एनं विदुरमृतास्ते भवन्ति ।।"* भगवंताले दर्शन स्थूल प्राकृत इन्द्रियान न्हंय तर सूक्ष्म असले मनानचि जाता.

सर्वापयले इन्द्रान ब्रह्म पळयिल्यान इन्द्राक परमात्मालें सान्निध्य मेळें. आनी द्वापर युगांतु इन्द्रावतार जावन् आशिलो अर्जुन तागेलो प्रिय सखा जावनुं आसता. आपूण *"पाण्डवानां धनञ्जयः"* म्हण्णुं गीतेंतु (१०.३७) सांगचाक येता.

**(१५२). *वामनः* - जो आकारान ल्हान दिसता, तो.**

वामन हो श्री विष्णुलो चौथो अवतार. अणुरूपांतु पयलें येवनुं मागीर विराट स्वरूप घेवनुं तो पथ्वी, अंतरिक्ष आनी स्वर्ग आपण्याले तीन पादक्रमान अंक्ति करता. विष्णुलें हे महान् कार्याचि ऋग्वेदांतु स्तुति जालिली आसा. *"त्रीणि पदा वि चक्रमे विष्णुर्गोपा अदाभ्यः । अतो धर्माणि धारयन् ।। विष्णोः कर्माणि पश्यत यतो व्रतानि पस्पशे । इन्द्रस्य युज्यः सखा ।।"* (१.२२.१८-१९).

परमात्मा आपण्याले वामन रूपान हृदयांतु बसून प्राणवायूक प्रेरित करता म्हण्णुं कठोपनिषद सांगता. *"ऊर्ध्वं प्राणमुन्नयति अपानं प्रत्यगस्यति । मध्ये वामनमासीनं विश्वेदेवा उपासते ।।"* (२.२.३).

**(१५३). प्रांशुः - जो आकारान व्होड आसा, तो..**

भगवंतालो आकार मापचें कोणांकयी साध्य ना. देकून तागेलें वर्णन *"अणोर् अणीयान् महतो महीयान् आत्मा गुहायां निहितोऽस्य जन्तोः ।"* (श्वेताश्वतर उपनिशद (३.२०) - ल्हानांतु ल्हान व्होडांतु व्होड हो आत्मा सर्व जीवांले अंतरात्मांतु निपून आसा. स्थूल आनी सूक्ष्मरूपान तो शरीरांतु आसता. *"स्थूलानि सूक्ष्मानि बहूनि चैव रूपाणि देही स्वगुणैर्वृणोति ।।"* (श्वेताश्वतर उपनिशद ५.१२) हरिवंशांतु विश्वरूपदर्शना विशय सांगल्यां *"तस्य विक्रमतो भूमी चन्दादित्यौ स्थनांतरे । नभः प्रक्रममाणस्य जानुमूले व्यवस्थितौ ।।"*

**(१५४). *अमोघः* - कोणांले कार्य केन्नांयी असफल जायना, तो.**

सत्य-ऋत-धम हीं परमात्मालीं तीन स्वाभाविक गुणं आसाचि. सत्य म्हळ्यार नित्य आसचो परमात्मा; ऋत हीं तागेली निश्चित इच्छाशक्ति ; ती इच्छाशक्ति धारण करचे नियम धर्म जावनुं आसाचि. हे तिग्गांचो अतूट संबंद कालचक्र अव्याहत चलयता. हे त्रिपुटींचे पालन केलिल्यान श्रेय आनी अवहेलन केलिल्यान भय मेळ्ता, हांत् संशय ना.

जे तरेन कर्माचि गति गहन आसा, ते तरेन ती अनिवार्य आनी अमोघवी आसा. सनातान नियमं मनुष्यान विसरचें शक्य आसा पुण ताजें उल्लंघन करचें ताका साध्य ना. संसारांणु निरंतर चलचे संघर्षाक तोंड दिवचें आसल्यार धर्माचें आचरण करका.

**(१५५). *शुचिः* - कोणांले अस्तित्व पवित्र आसा, तो.**

परमात्मा स्वतः शुचिर्भूत आशिल्यान ताका शुचिर्भूत जीवचि प्रिय आसताचि. *"अनपेक्षः शुचिर्दक्षः उदासीनो गतव्यथः । सर्वारंभपरित्यागी यो मद्भक्तः स मे प्रियः ॥"* (गीता.१२.१६) कार्यी अपेक्षा ना करचो मनूष्य, पवित्र, दक्ष, उदासीन, व्यथारहित मनाचो भक्तु भगवंताक प्रिय आसा.

**(१५६). *ऊर्जितः* - जो महा पराक्रमी आसा, तो.**

भगवंतान गीतेंतु सांगिले तरेन जगांतु जें कांय श्री, शोभायुक्त आनी ऊर्जित आसा तें सर्व तागेलेंचि स्वरूप आसा.

**(१५७). *अतीन्द्रः* - जो देवादि देव इन्द्रापेक्षां श्रेष्ठ आसा, तो.**

इन्द्र हो मनाचो अभिमानी देव आसा. आनी मनापेक्षां श्रेष्ठ स्थान ते परम पुरुषालेंचि आसता. *"इन्द्रियेभ्यः परं मनो मनसः सत्वमुत्तमं । सत्वादधि महानात्मा महतोऽव्यक्तमुत्तमं ॥ अव्यक्तात्तु परः पुरुषो व्यापकोऽलिंग एव च । तं ज्ञात्वा मुच्यते जंतुः अमृतत्वं च गच्छति ॥"* (कठोपनिषद.२.७-८).

**(१५८). *संग्रहः* - जो संग्रह करता, तो.**

सृष्टाचो संहार जाले नंतर परत श्री विष्णुले संकल्पानुसार प्रगट जावचे पयले सर्व जीवगण परमात्मांले उदरांतु अव्यक्तस्थान संग्रहित आसताचि. *"सर्वभूतानि कौन्तेय प्रकृतिं यान्ति मामिकाम् । कल्पक्षये पुनस्तानि कल्पादौ विसृजाम्यहम् ॥"* (गीता.९.७). निर्मिती आनी विनाशाचे मध्यांतरांतु जीवांक श्रीमन्नारायण आश्रय दिता.

**(१५९). *सर्गः* - जो सर्जन जाल्लिलें विश्वचि जावनुं आसा, तो.**

संग्रह केलिलें जीव-जगत् जेन्ना विश्व रूपान विस्तार जाता, तेन्नां तें विश्व परमात्म सादृष्य आसता. बिंबाचें प्रतिरूप प्रतिबिंब रूपान प्रगट जाता. विश्वांतु भगवंताले स्वरूप दर्शन जावचाकचि साक्षात्कार म्हणताचि.

**(१६०). *धृतात्मा* - जो स्वतःचे आत्मस्वरूपांतु स्थिर आसा, तो.**

*"पूर्णस्य पूर्णमादाय पूर्णमेवावशिश्यते"*. विश्वांतु प्रगट जाले नंतरवी तो आपण्याले पूर्ण स्वरूपांतल्यान विचलित जायना.

**(१६१). *नियमः* - जो आपण्याले नियमांतु आसता, तो.**

ऋत-धर्मांचो नियामक स्वतः नियमांतु आशिल्यान तो ऋत-धर्माचो प्रमाण जाता. *"यद्यदाचरति श्रेष्ठस्तत्तदेवेतरो जनः । स यत्प्रमाणं कुरुते लोकस्तदनुवर्तते ॥"* (गीता.३.२१). *"सत्यं बृहत् ऋतम् उग्रं दीक्षा तपो ब्रह्म यज्ञः पृथिवीं धारयन्ति ।"* पृथ्वीक धारण करचे सत्य-धर्मादि ता तोचि श्री विष्णु जावनुं आसा.

**(१६२). *यमः* - जो भितरले वृत्तींक वश दवरता, तो.**

जो भायर दिसचे विश्वाचें नियंत्रण करचो परमात्माचि भितर अंतरात्मांतु यम-नियमांचो अधिष्टात्री दैवत आसा.

*वेद्यो वैद्यः सदायोगी वीरहा माधवो मधुः ।*
*अतीन्द्रियो महामायो महोत्साहो महाबलः ॥ १८ ॥*

(१६३). *वेद्यः* - जो जाणचाक योग्य आसा, तो.

मनुष्य जें ज्ञान म्हण्णुं समजता तें वास्तविक विंग-विंगड वस्तूंचि माहिती आसता. वेद्वाराचि जाण घेतिल्यार मनुष्यालो संसार सुरळीत चलयेत. पुण सत्य-असत्याचें, नित्य-अनित्याचो विवेक केलेशिवाय ज्ञान मेळना. अध्यात्मज्ञान हेंचि विज्ञान आसून ताकाचि श्री कृष्ण *"अध्यात्मविद्या विद्यानां"* म्हण्णुं सांगता.

अध्यात्मज्ञान गूढ आसता. *"इदं तु ते गुह्यतमं प्रवक्ष्याम्यनसूयये । ज्ञानं विज्ञानसहितं यद्ज्ञात्वा मोक्ष्सेशुभात् ॥ राजविद्या राजगुह्यं पवित्रमिदमुत्तमं । प्रत्यक्षावगमं धर्म्यं सुसुखं कर्तुमव्ययम् ॥"* (गीता.९.१-२). विज्ञान म्हळ्यार विशेष ज्ञान - अध्यात्म ज्ञान, जें ग्रंथांचो अभ्यास, उपास, तीर्थाटन, यम-नियमांचे आचरण केलिल्यान मात्र प्राप्त जायना. श्री मध्वाचार्य उपदेशिताचि, *"अतो अपरोक्षज्ञानादेव मोक्षः । कर्म तु तत्साधनमेव ॥"* (गीताभाष्य). कर्म केवल साधन आसा. *"न हि ज्ञानेन सदृशं पवित्रमिह विद्यते । . . . ज्ञानी नित्ययुक्त एकभक्तिर्विशिष्यते । प्रियो हि ज्ञानिनोऽत्यर्थमहं स च मम प्रियः ।"* म्हण्णुं श्री कृष्ण सांगता.

देकून *"ज्ञानपूर्वः परः स्नेहो नित्यो भक्तिरितीर्यते ।" "धर्मः भगवान् । तद्विषयं धर्म्यं । सर्वं जगत् धत्ते इति धर्म ।"* (गीताभाष्य).

(१६४). *वैद्यः* - जो सर्व विद्येचें अधिष्ठान आसा, तो.

श्री कृष्ण गीतेंतु सांगता *"ज्ञानं ज्ञानवतामहम् ।"* (१०.३८) . . . *"वेदैश्च सर्वैः अहमेव वेद्यो"* (१५.१५). विश्वरूपदर्शनानंतर अर्जुन उद्गार काडता *"वेत्ताऽसि वेद्यं च परं च धाम । त्वया ततं विश्वमनंतरूपं ॥"* (११.३८) - तूंचि स्वतःक जाणता आनी जाणचाकबी तूंचि योग्य आसा. तुगेलेंचि व्यापक आनी अनंत रूप आसा.

(१६५). *सदायोगी* - जो स्वांतसुखांतु नित्य तृप्त आसता, तो.

योगाचि व्याख्या दिताना श्री कृष्ण म्हणता *"यदा विनियतं चित्तमात्मन्येवावतिष्ठते । निःस्पृहः सर्वकामेभ्यो युक्त इत्युच्यते तदा ॥ . . . सुखमात्यन्तिकं यत्तद् बुद्धिग्राह्यमतीन्द्रियम् । वेत्ति यत्र न चैवायं स्थितश्चलति तत्वतः ॥"* (गीता.६.१८ आनी २१) - स्वाधीन आशिलें चित्त जेन्नां आत्म्यांतु स्थिर जालिल्यान कोण सर्वकामनांपासून निस्पृह जाता तेन्नां तो योगयुक्त आसता . . . जे अवस्थेंतु आशिल्यान केवल बुद्धीन जाणचें आनी इन्द्रियांचे पेल्तडेन आसचे परमत्वाचो अनुभव जाता ते अवस्थेंतु योगी आत्मापासून केन्नांयी विचलित जायना. *"आत्मा आत्मानं पश्यन् आत्मनि तुष्यति"*. आत्मा स्वतःक आत्म्यांतु पोळेवनुं संतोष पावता. श्रीमन्नारायणालें हें *'अद्वैत'* - अद्वितीय सुखाचे वर्णन ताजे शिवाय दुसरे कोण सांगू शक्ताले ?

(१६६). *वीरहा* - जो जनांली वीरवृत्ती नाश करता, तो.

लोककल्याणाखातीर वापरचांतु येवचें वीर्य परमात्मा नाश करना. पुण तेंचि वीर्याचो उपयोग अहंकाराक लागून मनुष्य दुरुपयोग करता, तेन्नां जनांले हिता खातीर असली वारवृत्ती नाश करचें पडता. भगवान भागवत पुराणांतु म्हणता, *"यमनुगृह्णामि तद्विशो विधुनोम्यहम् । यन्मदः पुरुषः स्तब्धो लोकं मां चावमन्यते ॥"* - माका कोणांवयर कृपा करची आसा तागेली शक्ति हांवु पयलें हरण करता, कारण शक्तिचे अहंकारान तो जनांक आनी माका मान्य करना. परम भक्त प्रह्लाद हे तरेन जावचें वीर्य हरण भगवंताले अनुग्रहाचें दर्शन आसा. *"मन्ये महानस्य कृतो ह्यनुग्रहो विभ्रंशितो यच्छ्रिय आत्ममोहनात् ।"* परम भक्त प्रह्लादाले मतान मनुष्यालि अहंकारी वीरवृत्ति भगवंताले अनुग्रहाक लागूनचि नाश जाता.

## (१६७). *माधवः* - जो विद्येचो अधिपति आसा, तो.

*"मा विद्या च हरेः प्रोक्ता तस्या ईशो यतो भवान् । तस्मान्माधवनामासि धवः स्वामीति शब्दितः ॥"* (हरिवंश). हरीलें ज्ञान म्हळ्यार मा आनी धव शब्द स्वामीवाचक आसा. देकून परमात्मालें नांव माधव.

*"मधुविद्यावबोधत्वात् धवत्वाद्वा श्रियोऽनिशम् । मौनाद् ध्यानाद् च योगश्च विधि भारत माधवम् ॥"* - मधुविद्येचें ज्ञान, मौन, ध्यान आनी योग हांचे मुखांतर लक्ष्मीपति माधवाक समजून घेवचाक जाय म्हण्णुं महाभारतांतु सांगल्या.

## (१६८). *मधुः* - जो मद म्हळ्यार सुखदायक आसा, तो.

भगवंत स्वतः *रसमय* आशिल्यान तो विश्वबी *रसमय* करता. श्री मध्वाचार्य छांदोग्योपनिषदाचे *"असौ वा आदित्यो देवमधुः ।"* हे मंत्रायर भाष्य करताना *"य आदित्यो विष्णुः स एव मधुनामकः । मदधिर्मधिति प्रोक्तो मदः सुखमिहोच्यते । अ इत्याधिक्यमुद्दिष्टं मद् ज्ञानततिरुच्यते ।"* - आदित्यांतु आशिलो विष्णूचि मधु नावांन ओळ्खुवचांतु येता म्हण्णुं सांगताचि. मधु म्हळ्यार मद, सुख. मद शब्दाचे अखेरीक आशिले अकार अधिक्य सूचित करता.

## (१६९). *अतिन्द्रियः* - जो इन्द्रियांपासून जाणचाक शकना, तो.

अर्जुनाक भगवंताले विश्वरूपाचें दर्शन दिव्य दृष्टी दिलिल्यान प्राप्त जाता. *"न तु मां शक्यसे द्रष्टुमनेनैव स्वचक्षुषा । दिव्यं ददामि ते चक्षुः पश्य मे योगमैश्वरम् ॥"* (गीता.११.८) कारण *"परांचि खानि व्यतृणत् स्वयंभूः तस्मात् पराङ पश्यति नान्तरात्मन् । कश्चित् धीराः प्रत्यगात्मानमैक्षत् आवृत्तचक्षुः अमृतत्वमिच्छन् ॥"* (कठोपनिषद.२.१.१) - परमात्मान मनुष्याले इन्द्रियं बहिर्मुख केलिल्यान तो भायरचे वस्तु मात्र पोळोंव शक्ता, भितरले न्हंय. *"यदा पंचावशतिष्ठन्ते ज्ञानानि मनसा सह । बुद्धिश्च न विचेष्टति तमाहुः परमां गतिं ॥"* (कठोपनिषद.२.३.१०) - जेन्नां पंचज्ञानेन्द्रियं मनासकट विषय वस्तूंपासून परान्मुख जाताचि आनी बुद्धिसुद्धां स्तब्ध आसता, तेन्नांचि ताका परम गति प्राप्त जाता.

परमात्मा इन्द्रियांचो विषय न्हंय. *"नैव वाचा न मनसा प्राप्तुं शक्यो न चक्षुषा । अस्तीति ब्रुवतोऽन्यत्र कथं तदुपलभ्यते ॥"* (कठोपनिषद.२.३.१२). - शब्दांनि न्हंय, मनान न्हंय, दोळ्यांनि न्हंय ; *'आसा'* म्हळ्ळे शिवाय तें खंयचे तेरन प्राप्त जातालें ?

## (१७०). *महामायः* - जो व्होड माया, शक्ति आसा, तो.

अध्यात्मिक ग्रंथांतु माया शब्द प्रज्ञा, धी आनी कर्म म्हण्णुं हे अर्थान वापरचांतु आयला, केवल अ-प्राकृतिक किंवा विश्वनियमांचे भायर आसचि शक्ति म्हण्णुं मात्र न्हंय. *माया* हाजो अर्थ *मा* - मापचें आनी *या* - आकार दिवचें म्हण्णुं आसा. निरुक्तांतु *"मीयन्ते परिच्छिद्यन्ते अनया पदार्थः"* म्हण्णुं अर्थ केल्लिो आसा.

देकून परमात्मा *'मायावी'* म्हळ्यार अ-प्रकट अवस्था प्रकटावस्थेंतु हाडचि प्रज्ञा, धी, शक्ति किंवा कर्म जावनुं आसा. *"दैवी ह्येषा गुणमयी मम माया दुरत्यया । मामेव प्रपद्यन्ते मायामेतां तरन्ति ते ॥"* म्हण्णुं गीतेंतु (७.१४) सांगल्यां. *"रूपं रूपं प्रतिरूपो बभूव तद् अस्य रूपं प्रतिचक्षणाय ।"*. दर एक रूपांतु तागेले रूप प्रतिबिम्ब दिसचें हें परमात्माले ते *माया*, शक्ति, संकल्पाक लागून आसा.

## (१७१). *महोत्साहः* - कोणांलो उत्साह महान् आसा, तो.

कर्म हें कालचक्राचें एक अत्यंत महत्वाचे अंग जावनुं आसा. विश्वाचि निर्मिती परमात्माले उत्स्फूर्त संकल्प शक्तीक लागून आसा. *"सूर्यस्य पश्य श्रेमाणं यो न तन्द्रयते चरन् । चरैवेति चरैवेति ॥"* - सूर्याक पळय ! चलत

आसल्यारिवी तो थकना. देकून तूं सदा क्रमशील जूर, क्रमशील जूर. परमात्मा आपण्माले कार्यांतु अविरत गतिशील आसता. *"न हि कश्चित्क्षणमपि जातु तिष्ठत्यकर्मकृत् । कार्यते ह्यवशः कर्म सर्वः प्रकृतिजैर्गुणैः ॥"* (३.५) ताका मेळोवचें अशें कांयियी नासल्यारियी तागेले उत्साहाक अंत ना. *"न मे पार्थास्ति कर्तव्यं त्रिषु लोकेषु किञ्चन । नानावाप्तमवाप्तव्यं वर्त एव च कर्मणि ॥"* (३.२२). देकून हे तरेन चलोवचांतु आयिले कालचक्राक प्रगत रूप दिवचें हें दर एक मनुष्यालें कर्तव्य जावनुं आसा. *"एवं प्रवर्तितं चक्रं नानुवर्तयतीह यः । अघायुरिन्द्रियारामो मोघं पार्थ स जीवति ॥"* (३.१६).

(१७२). *महाबलः* - **जो महाशक्तिशाली आसा, तो.**

परमात्मा शक्तिचो प्रतीक आसा. तो दुष्टांलो नाश आनी साधु-संताले संरक्षण करनुं धर्माक नवें जीवन दिता. तो *"बलं बलवतां अस्मि कामरागविवर्जितम् ।"* (गीता.७.११). तागेले बल काम किंवा इन्द्रियासक्तेन ऊर्जितावस्थेंतु येना.

*महाबुद्धिर्महावीर्यो महाशक्तिर्महाद्युतिः ।*
*अनिर्देश्यवपुः श्रीमानमेयात्मा महाद्रिधृक् ॥ १९ ॥*

(१७३). *महाबुद्धिः* - जो महा बुद्धिशाली आसा, तो.
(१७४). *महावीर्यः* - जो महा वीर्यशाली आसा, तो.
(१७५). *महाशक्तिः* - जो महा शक्तिशाली आसा, तो.
(१७६). *महाद्युतिः* - जो महा ज्योतिस्वरूप आसा, तो.

*'परात्पर', "नास्त्यन्तो विस्तरस्य मे", "यद्यद्विभूतिमत्सत्वं श्रीमदूर्जितमेव वा । तत्तदेवागच्छ त्वं मम तेजोंऽशसम्भवम् ॥", "अनंतशीर्यामितविक्रमस्त्वं सर्वं समाप्योषि ततोऽसि सर्वः", "न त्वत्समोऽस्त्यभ्यधिकः कुतोऽन्यो लोकत्रयेऽप्यप्रतिमप्रभाव ॥"* गीतेंतले हे आनी विंगड उल्लेख परमात्माली महान् आनी असामान्य शक्ति उक्तें करताचि.

(१७७). *अनिर्देश्यवपुः* - कोणांले रूपाचें वर्णन करचाक जाय ना, तो.

परमात्मा रूपातीत आसून तागेले वर्णन उत्रांनि जायना. शब्दांचि शक्ति अपूरि पडता. सर्व विश्वांतु पूर्णरीतीन पसरिले तागेलें अस्तित्व विशाल आनी व्यापक आशिल्यान विश्व आवरण करनुं वी दशांगुलान तो अजून पसरलो.

केवल भक्तावयले प्रेमाक लागून तो मनुष्याले शरीराचो आकार घेता. *"न ते रूपं न चाकारो नायुधानि नास्पदम् । तथापि पुरुषाकारो भक्तानां च प्रकाशसे ॥"* जेन्नां भगवान पृथ्वी वयर अवतार घेता तेन्नां सुद्धां तो अंश रूपान आसून तागेलें शरीर अ-प्राकृतीक आनी ज्ञानस्वरूप आसता.

(१७८). *श्रीमान्* : - जो वैभव संपन्न आसा, तो.

श्री लक्ष्मी भगवंताले वक्षस्थळावयर विराजमान आशिल्यान तो अनंत ऐश्वर्याचो स्वामी आसा. तागेली संपत्ती दिव्य आसून तागेले हिरण्मय स्वरूपांतु निर्मल तेज, ओज आनी शक्तिचि अव्याहत व्हांवचि धारा अभिप्रेत आसा.

(१७९). *अनेयात्मा* - कोणाक मापचें शक्य जायना, तो.

ख्वंयचेयी वस्तु मापचे आसल्यार *प्रमाता, प्रमाण* आनी *प्रमेय* हे त्रिपुटीचि आवश्यकता आसता. पुण परमात्माले वैभवाचो ताळ-तंत मनुष्याले बुद्धीक लागत नाशिल्यान परमात्माक मापचें म्हळ्यार अ- साध्य जाता.

### (१८०). *महाद्रिधृक्* - जो महान् पर्वत धारण करता, तो.

पौराणिक आख्यायिकानुसार श्रीमन्नारायणान आपण्याले कूर्म अवतारांतु मंदार पर्वत आपण्याले पाठीवयर धारण करनुं देव-दानवांले अमृत मंथनाचे कार्यांतु सक्रीय भाग घेतिलो. कृष्णावतारांतु गोवर्धन पर्वत आपण्याले किरंगळीवयर धरनुं गोकुलांतले प्रजेक इन्द्राले प्रकोपा पासून रक्षण केलिलें. हे संदर्भाचो आध्यामिक रहस्य कूर्म, इन्द्र आनी गोकुल हे शब्दांचो अर्थ समजून जाता. कूर्म म्हळ्यार योगी, गोकुल म्हळ्यार मनुष्यालें अंतःकरण आसून इन्द्र मनाचो अभिमानी दैवत आसा. यदा संहरते चायं कूर्मोऽङ्गानिव सर्वशः । इन्द्रियाणीन्द्रियार्थेभ्यस्तस्य प्रज्ञा प्रतिष्ठिता ॥ (गीता. २.५८) म्हण्णुं श्री कृष्ण स्थितप्रज्ञालें वर्णन करता. गोकुल हें मनुष्यालें अंतःकरण आसून इन्द्रावयर विजय पावचें म्हळ्यार मनुष्यान आपण्याले हृदयांतु निवास करनुं आशिले वामन शक्तीन मनावयर - मनाचो अभिमानी दैवत इन्द्रावयर नियंत्रण दवरचें तरेन आसा.

· *महेश्वासो महीभर्ता श्रीनिवासः सतांगतिः ।*
*अनिरुद्धः सुरानन्दो गोविन्दो गोविदा पतिः ॥ २० ॥*

### (१८१). *महेश्वासः* - जो महान् धनुष्य धारण करता, तो किंवा जो महाप्राण आसा, तो.

भगवंतालो धनुष्य तागेले अस्तित्वाचें, असामान्य शक्तिचें दर्शन दिता. तेचि तरेन तो मुख्य प्राणालो प्रतीक आसा. देकून जे तरेन ॐकाराचो शब्द ध्वनींतु, ध्वनी ज्योतींतु आनी ज्योत अपरोक्ष ज्ञानांतु परिवर्तित जाता ते तरेन परमात्माले धनुष्याचे झंकारान परमात्माले हृदय स्पंदन ज्योतींतु परिवर्तन करनुं मनुष्यांतु नवचैतन्य जागें जाता.

विष्णुलें परम पद प्राप्त करचे साधन म्हण्णुं मुण्डकोपनिषदांतु (२.२.३-४) धनुष्याचो उल्लेस करचांतु आयला. *"प्रणवो धनुर्गृहीत्वौपनिषदं महास्त्रं शरं ह्युपासानिशितं संदधीत । आयम्य तद्भावगतेन चेतसा लक्ष्यं तदेवाक्षरं सोम्य विद्धि ॥ धनुः शरोह्यात्मा ब्रह्म तत् लक्ष्यम् उच्यते । अप्रमत्तेन वेदव्य शरवत् तन्मनो भवेत् ॥"*

श्री विष्णु सहस्रनामाची अविरत आनी अखंड उपासनेन शब्दब्रह्म आनी भगवद्भक्तिचें अनुसंधान जाता.

### (१८२). *महीभर्ता* - जो पृथ्वीचो पालक आसा, तो.

परमात्मा विश्वाचो निर्माण आनी पालन करचो पालक आसता. *"पितासि लोकस्य चराचरस्य . . . पितेव पुत्रस्य सखेव सख्युः प्रियः प्रियायार्हसि देव सोढुम् ॥"* म्हण्णुं गीतेंतु उल्लेस आसा.

### (१८३). *श्रीनिवासः* - कोणांलागीं श्री, लक्ष्मी निवास करता, तो.

जेन्ना अमृतमंथनांतल्यान श्रीलक्ष्मी प्रगट जालि तेन्नां ती सरळ विष्णुले वक्षस्थळवयर आरूढ जाली. *"तस्याः श्रियस्त्रिजगतो जनको जनन्या वक्षो निवासमकरोत् परमं विभूतेः । श्रीः स्वाः प्रजाः सकरुणेन निरीक्षणेन यत्र स्थिता[illegible]लोकान् ॥"* (भागवत पुराण). जगाचो पिता श्री विष्णुलें वक्षस्थळचि ते जगन्माता श्री लक्ष्मीन, जी सर्व संपत्तांचें मूळ स्रोत आसा, आपण्यालें निवास स्थान करनुं तीन लोकांचे पालन आनी देवांक सृजनशील केलें.

### (१८४). *सतांगतिः* - जो सत्पुरुषांलो अंतिम लक्ष्य जावनुं आसा, तो.

गीतेंतु श्री कृष्णाक *'गतिर्भर्ता प्रभुः साक्षी निवासः शरणं सुहृत'* - प्रेरक, पोशक, स्वामी, साक्षी, निवासस्थान, शरण आनी सुहृद म्हळ्यां.

### (१८५). *अनिरुद्धः* - कोणाक अवरोधन ना, तो.

कसलेंयी प्रयास करत नासताना भगवान आपण्याले शक्तीन दर एक जीवाक प्रभावित करता. श्री विष्णुले चार व्यूह किंवा प्रभाव आसाचि - प्रद्युम्न, संकर्षण, अनिरुद्ध आनी वासुदेव. जेन्नां परमात्माली शक्ति आनी तेज अनिरुद्ध

व्यूहांतु प्रभावित जाता तेन्नां ताजो वर्ण निळे आसून, तागेले चार हातांतु खड्ग, गदा, शंख आनी अभय मुद्रा आसता. ध्वजाचें चिन्ह मृग आसून हे व्यूहांतु ज्ञान, बल, वीर्य आनी ऐश्वर्याचो समावेश आसता.

**(१८६). सुरानंद: - जो देवांक आनंद दिता, तो.**

जगांतु असूरी प्रवृत्ती वाढनुं मनुष्यालें चित्त आनी आचरण मलीन जाता आनी तागेले सात्विक वृत्तीवदर अवकळ येता तेन्नां भगवान आपण्यालो प्रभाव पसरावनुं मनुष्यालें अंत:करण निर्मल करता. ज्ञानाचो सुकाळ आयिल्यान इन्द्रियांतु आनी दृष्टींतु नवचैतन्य, स्फूर्त आनी आनंद येता.

**(१८७). *गोविंद:* - कोणाक इन्द्रियांची यथार्थ जाण आसा, तो.**

मनुष्य इन्द्रियांचो आहारी आसता. जे तरेन इन्द्रियं ताका आकर्शित करताचि ते तरेन तागेलें मन आनी जीवन परिणामित जाता. कठोपनिषदेंतु इन्द्रियांक घोड्यांचि उपमा दिलिली आसा. घोड्यातरेन चंचल आशिल्यान इन्द्रियांक नियंत्रणेंतु दवरचें आवश्यक आसता. *"विज्ञानसारथीर्यस्तु मन:प्रग्रहवान् नर: । सोऽध्वन: परमाप्नोति तद्विष्णो: परमं पदम् ॥"*. जो ज्ञानी मनुश्य आपण्याले अश्वरूपी चंचल मनाक ताब्यांतु दवरता तोचि अखेरीक विष्णूलें परम पद प्राप्त करता.

**(१८८). *गोविदांपति:* - जो इन्द्रियज्ञानाचो स्वामी आसा, तो.**

संसारांतु परमात्मान अवतरण करचें म्हळ्यार मनुष्याले अंत:करणांतु आशिले अज्ञानाचे आवरण दूर जावनूं थंद दैवी शक्तिचे अवतरण जावचें आसा. मनुष्याले बहिर्मुख इन्द्रियांक जेन्नां मनुष्य अंतर्मुख करता तेन्नां परमात्माले अवताराक सुरवात जाता. तागेले इन्द्रियं, मन आनी बुद्धि परमात्माले तेजान प्रभावित जावनुं ताका गोविंद पदाचि अनुभूति जाता.

हें तेन्नांचि साध्य जाता जेन्नां मनुष्याले तन आनी मनांतु श्री विष्णूलें नांव सतत दुमदुमता. संत बिल्वमंगल म्हणता, *"जिह्वे सदैव भज सुन्दराणि नामानि कृष्णस्य मनोहराणि । मुकुन्द वैकुंठ हरे मुरारे गोविन्द दामोदर माधवेति ॥"*. भगवंताले नांवाचो प्रभाव पडलो कीं वाणी आनी प्राण एक जाताचि आनी जीवन विष्णुमय जाता.

भारतीय अध्यात्म शास्त्रांतु गाय ब्रह्मज्ञानाचें आनी पवित्रतेचें प्रतीक जावनुं आसा. *"सा सिताभ्र प्रतीकाशा चतुर्वेद चतुष्पदा । स्तनै: चतुर्भि: धर्मार्थ कामा: प्रसवकारिणी ॥"* - धवी शुभ्र गाय उज्वल आसून चार वेद तिगेले चार पाय आसाचि. तिगेले चार स्तनांतल्यान धर्म, अर्थ, काम आनी मोक्ष प्रसवता. जो हे वेदाचो खरो अर्थ समजता तोचि वेदस्वरूप आसून तोचि गोविदांपति आसा.

*मरीचिर्दमनो हंस: सुपर्णो भुजगोत्तम: ।*
*हिरण्यनाभ: सुतपा: पद्मनाभ: प्रजापति: ॥ २१ ॥*

**(१८९). *मरीचि:* - जो तेजाचें प्र-प्रथम किरण जावनुं आसा, तो.**

परमात्माले तेजाचे पयलें किरण प्रगट जालें कीं माया सृष्टीचें पयलें प्रसवन जाता. माया म्हळ्यार परमात्मालि शक्ति; ताका लागून विश्वाचे निर्माण कार्य आरंभ जाता. मरिची माया-मोहाचो प्रवर्तक आशिल्यान पसरिलो संसार पोळोवनुं जीव भांबावता. *"म्रियन्ते नश्यन्ति क्षुद्र जन्तव: तमांसि वा अनेन इति मरीचि ।"* माया अज्ञानाचो उद्रेक आसा.

**(१९०). *दमन:* - जो अध्यात्मजीवनाक उपयोजक नाशिली शक्ति नियंत्रणेंतु दवरता, तो.**

केनोपनिषदांतु एक आख्यायिका आसा. परमात्मालागीं जेन्नां देव, मानव आनी दानव उपदेशाख्यातीर गेले तेन्नां देवान ते तीगांकयी उपदेश एकचि शब्दान दिलो - 'द'. आनी तिग्गांनयी तो *'दया'*, *'दान'* आनी *'दमन'* म्हण्णुं

समजलो. देकून मनुष्यान सुद्धां आपण्याले भितर आशिले सात्विक प्रवृत्ती दयाभावनेन, राजसिक राजसिक प्रवृत्ती दानधर्म भावनेन आनी तामसिक प्रवृत्ती दमन करनुं आपण्याले अध्यात्मिक विकासाचि साधना करका.

## (१९१). *हंसः* - जो अंतःकरणांतु आसचो परमात्मा, तो.

प्रत्येक मनुष्याले अंतरंगांतु निवास करनुं आपूण **सत्यनिष्ठ, सत्यसंकल्प, सत्यप्रवर्तक** आसा - *'अहं सः'* म्हण्णुं निर्देश करचो तो परमात्मा. श्री मध्वाचार्यांनी *'अहं ब्रह्मास्मि'* हे महावाक्यावयर व्यास्व्या करताना *'अहं' 'ब्रह्म'* आनी *'अस्मि'* हे परमात्मालें अस्तित्व स्पश्टायताचि आनी ते शब्द जीव-ब्रह्मालें ऐक्य दास्वयनांचि म्हण्णुं प्रतिपादन केलिलें आसा. *"अहेयात्मादहंनामा भगवान् हरिरव्ययः । ब्रह्मासौ गुणपूर्णत्वात् अस्मि असौ असनान्मिते ॥"* (गीता तात्पर्य). *"अहं अहेयं ब्रह्म परिपूर्ण अस्मि सर्वदाऽस्तीति मेयं इत्येतैः विशेषणैः आत्मानं स्वरूपमेवावेत् ॥"* (बृहदारण्यकोपनिषद्भाष्य). *'अहं'* - कोणांकडचानयी सोडचाक शक्य नाशिलो, *'ब्रह्म'* - परिपूर्ण, *'अस्मि'* - जो केन्द्रांयी आसचो परमात्मा म्हण्णुं अर्थ करचाक जाय. श्री विष्णून हंस रूपान प्रगट जावनुं ब्रह्म तत्वाचें यथार्थज्ञान - नीरक्षीर विवेक बुद्धीन - सनकादि महर्षीक दिलिलें आसा म्हण्णुं ताका हंस हें नांव.

## (१९२). *सुपर्णः* - कोणांलि पंख्वं (किरणं) सुंदर आसाचि, तो.

जे तरेन सूर्यकिरणांवयर विष्णुले पायांचि कल्पना करचांतु आयली तेचि तरेन सूर्याक पक्षिरूपान गरुत्मान्, पतङ्ग, सुपर्ण म्हण्णुं येवजून ती नांवं विष्णुक लाविीं आसाचि. नैरुक्तांतु *'वि'* म्हळ्यार उडचें आनी *'स्नु'* म्हळ्यार उडचि पक्षी म्हण्णुं विष्णु शब्दाचो अर्थ आसा. ऋग्वेदांतु हे तरेचो अर्थ अनेक संदर्भांतु दिलिलो आसा. *"नाके सुपर्णम् उपपप्तिवासं गिरो वेनानाम् अकृपन्त पूर्विः ।"* (९.८५.११), *"एकः सुपर्णः स समुद्रम् आ विवेश स इदं विश्वं भुवनं वि चष्टे ।"* (१०.११४.४), *"सुपर्ण विप्राः कवयो वचोभिर् एकं सन्तं बहुदा कल्पयन्ति । इन्द्रं मित्रं वरुणमग्निमाहुरथो दिव्यः स सुपर्णो गरुत्मान् ।"* (१.१६४.४६), *"सुपर्णो अङ्ग सवितुर्गरुत्मा पर्वो जातः स उ अस्यानु धर्म ॥"* (१०.१४९.३). पुराणांतु सुपर्ण हें नांव विष्णुले वाहन, गरूडाकवी दिलिलें आसा.

## (१९३). *भुजगोत्तमः* - जो अनंतनाग, शेषनागातरेन उत्तम आसा, तो.

भारतीय आध्यात्म शास्त्रांतु नागाचो उल्लेख्व नित्यत्वाचो संकेत म्हण्णुं वापरचांतु येता. आनी हे कल्पनेक अनंत - अंत नाशिले, शेष - अख्वेरिक जें मात्र आसता तें, हीं विशेषणं वापरनुं परमात्मा नित्य, अंत नाशिलो आनी जो अख्वेरीक एकमात्र आसता, म्हण्णुं निदर्शन केल्यां.

## (१९४). *हिरण्यनाभः* - कोणांली नाभी भांगरा तरेन शोभता, तो.

नाभि विश्वाचें केन्द्र आनी पोशक स्थान आसा. चेरडुं जन्माक येवचे पयलें तागेले पोशण आवयले नाभिंतल्यान जाता. जो पर्यंत जीव-जगत् अचेतन आसता किंवा अर्धचेतन आसता तो पर्यंत तांगेलें अस्तित्व नाभिबद्ध आसता. नाभींतु ॐकार शक्ति विश्व-तेजस्-प्राज्ञ-तुरिय अवस्थेंतु आसता. योग साधनेंतु हे स्थानाक मणिपुर चक्र म्हण्णुं संबोधन करत आसून तप-योगसाधनेन ॐकाराचे ते चार अवस्था अविश्कार पावताचि. जे तरेन श्री विष्णुले नाभिकमलांतल्यान सृष्टी निर्माण कार्याक सुरवात जाली ते तरेन मनुष्याले आध्यात्म जीवनाचि आनी योग साधनेचि सुरवात नाभिकमलांतले सुप्त चैतन्यशक्ति जागी करनुं जाता.

## (१९५). *सुतपाः* - जो शुभसंकल्परूपी शक्ति आसा, तो.

स्वंयचेयी महान् कार्य आलोचन आनी संकल्पा शिवाय संपुष्टांतु येना. सत्य आनी ऋताचो विकास तपाचे आधारावयर आसता. *"ऋतं च सत्यं चाभिद्धात् तपसोऽध्यजायत ।"*. देकून श्री कृष्ण आपण्याले विभूतींतु तप समावेश करता - *'तपश्चास्मि तपस्विषु ।'* (गीता.७.९). *'तपः प्रभावात् देव प्रसादात् च'* - मनुष्याक परमात्मालें दर्शन जाता महण्णुं श्वेताश्वतरोपनिषद सांगता. गीतेंतु (१७.१४-१६) शारीरिक, वाचिक आनी मानसिक तपाचें महत्व अंतःकरण आनी भावशुद्धिरूपातीर दाख्वयलें आसा.

(१९६). *पद्मनाभः* - कोणांली नाभि कमला तरेन तांबूस आसा, तो.

तांबडो रंग हो शारीरिक आरोग्य आनी मानसिक स्वास्थ्याचो संकेत करता. तो एक शुभलक्षणाचो चिन्हबी आसा. देकून विश्व निर्माण कार्याचो उगम श्रीमन्नारायणाले तांबूस रंगाचे नाभींतल्यान जालें.

शब्दाचें उगमस्थान नाभींतु आशिल्यान ॐकाराचो प्र-प्रथम झंकार मन,'बुद्धि आनी अहंकार छेद करनुं विष्णुले परम पदाक पावता. भगवंताले नांवांतु आशिलें तेज मनुष्याले जीवनाचे श्रेय जावनुं आसा.

(१९७). *प्रजापतिः* - जो सर्व प्राणिजीवांचो स्वामी जावनुं आसा, तो.

प्रजा म्हळ्यार जें जन्माक येता तें. देकून भगवान न केवल चेतन प्राणिजीवांचो तर निसर्गाचे अचेतन सृष्टीचोबी स्वामी आसा. *"उभयं एतद् प्रजापतिः निरुक्तः । अनिरुक्तः च परिमितः च अपरिमितः च ॥"* - उच्छार करचें शक्य आशिलें आनी शक्य नाशिलें, सीमित आशिलें आनी सीमित आशिलें तसलें स्वरूप प्रजापतीलें आसा. विश्वाचो सर्जक आसूनबी विश्वाचे स्वंयचेयी मापदंडान ताका मापचाक शक्य जाय ना. देकून प्रजापतीन आपण्यालें स्वरूप मनुष्यांक दिलें आनी तेन्नांचि देव हे मनुष्य शरीरांतु निवास करताले जाले. वैष्णव संप्रदायेंतु मनुष्यालें शरीर हें देवमंदिर म्हण्णुं मानचांतु येता आनी ताका गंध, गोपीचंदन आनी वैष्णवी चिन्हांनी सुशोभित करचांतु येता.

***अमृत्युः सर्वदृक् सिंहः सन्धाता सन्धिमान् स्थिरः ।***
***अजो दुर्मर्षणः शास्ता विश्रुतात्मा सुरारिहा ॥ २२ ॥***

(१९८). *अमृत्युः* - कोणाक मरण ना, तो.

प्रकृतींतु निर्माण जालिले दर एक वस्तूक नाश आसा. जें केन्नांयी निर्माण जालें ना पुण सर्व निर्माण कार्याक कारणीभूत जावनुं आसा ताका विनाश स्वंयचो आसतालो ? श्री मध्वाचार्य आलोचन करताचि : ***"जायते नैव कुत्रापि म्रियते कुत्र एव तु । न वध्यो मुह्यते नायं बध्यते नैव केनचित् ॥"*** (महाभारत तात्पर्यनिर्णय). ***"यद्यपि नित्यत्व जीवस्यापि अस्ति तथापि सर्वप्रकारेण अविनाशित्वं विष्णोरेवेति तु शब्दः । अनित्यत्वं देहहानिः दुःखप्राप्तिरपूर्णता । नाशश्चतुर्विधः प्रोक्तः तदभावो हरेः सदा । तदन्येषां तु सर्वेषां नाशाः केचिद् भवन्ति हि ।"*** (गीतातात्पर्य).

(१९९). ***सर्वदृक्*** - जो सर्वकांय नियाळ्ता, तो.

भगवंताली ज्ञानशक्ति स्वाभाविक आशिल्यान ताका अज्ञात अशें कांयी ना. तागेले *सत्* हे अस्ति-स्वरूपाक चित हें ज्ञान-स्वरूप जोडिलें आसा. *"सर्व तद् राजा वरुणो वि चष्टे यद् अन्तरा रोदसी यत् परस्तात् । संख्याता अस्य निमिस जनानाम् . . . ॥"* (अथर्ववेद.४.१६.५) - राजा वरुण तें सर्व कांय पळयता, जें अंतराळांतु आसा आनी जें पेलतडेनबी ताणें मनुष्याले दोळ्यांचे उघड-झांक मोजिले आसाचि.

(२००). *सिंहः* - जो सर्व शक्तिमान् आसा, तो.

*"प्र तद्विष्णुः स्तवते वीर्येण मृगो न भीमः कुचरो गिरिष्टाः । यस्योरुषु त्रिषु विक्रमणेष्वधिक्षियन्ति भुवनानि विश्वा ॥"* (ऋ.१.१५४.२). सायणाचार्य हे मंत्रावयले भाष्यांतु स्पश्ट करताचि - *"सः महानुभावः वीर्येण - स्वकीयेन वीरकर्मणा पूर्वोक्तरूपेण, स्तवते - स्तूयते सर्वैः । मृगो न - सिंहादिरिव । यथा स्वविरोधिनः मृगयिता सिंहः, भीमः भीतिजनकः, कुचरः - कुत्सितहिंसादिकर्ता दुर्गमप्रदेशगन्ता वा, गिरिष्टाः - पर्वताद्युन्नतप्रदेशस्थायी सर्वैः स्तूयते । किं कुचरः - शत्रुवधादिकुत्सितकर्मकर्ता, कुषु - सर्वासु भूमिषु, लोकत्रये संचारी वा, तथा गिरिष्टाः - गिरिवत् उच्छ्रितलोकस्थायी । यद्वा । गिरिमन्त्रादिरूपायां वाचि सर्वदा वर्तमानः । यस्य विष्णोः, उरुषु - विस्तीर्णेषु त्रिसंख्याकेषु विक्रमणेषु - पादप्रक्षेपेषु, विश्वा - सर्वाणि, भुवनानि - भुतजातानि, अधिक्षियन्ति - आश्रित्य निवसन्ति, सः विष्णुः स्तूयते ।"*

(२०१). *सन्धाता:* - **जो एकमेकांक जोडता, तो.**

परमात्म तत्व हें एकचि असलें मूळ तत्व आसा जें भूत-वर्तमान-भविष्य, जगत्-अंतरिक्ष-स्वर्ग, सृष्टी-स्थिती-लय, देव-दानव-मानव हांतूत संधी हाडनुं तांका जोडयता. *"मत्तः परतरं नान्यत्किञ्चिदस्ति धनञ्जय । मयि सर्वाणि प्रोतं सूत्रे मणिगणां इव ॥ . . . वेदाहं समतीतानि वर्तमानानि चार्जुन । भविष्याणि च भूतानि मां तु वेद न कश्चन ॥"* (गीता.७.७ आनी २६). विश्वांतले दरएक वस्तूचो आनी परमात्मालो संबंध वाक्, प्राण आनी मनाचे मुखांतर सूक्ष्म इतलेंचि न्हंय तर स्थूल प्रकृतींतु बी व्यक्त जाता.

(२०२). *सन्धिमान्* - **जो संधिरूपान आशिलो परम आत्मा आसा, तो.**

जीवात्मान एक बाजून प्रकृति बरोबर आनी दुसरे बाजून परमेश्वरा बरोबर संबंध जोडिलो आसा. प्रकृताचे माध्यमांतल्यान आपण्यालो विकास करनुं परमात्माले अध्यात्मज्ञानान ताका आपण्यालें निजस्वरूप जाणचें आसता. तागेलो उद्देश तेन्नांचि पूर्ण जाता जेन्नां तो आपण्याले श्रद्धा, उत्साह, वीर्य, स्मृति आनी प्रज्ञेक लागून परमात्माबरोबर अनुसंधान करता. कारण आत्मोद्धाराचे वाटचालेंतु 'संधिमान्' परमात्मालो प्रकाशूचि ताका मार्गदर्शन करूं शक्ता.

(२०३). *स्थिरः* - जो सदा एकरूप आनी अचल आसा, तो.

भगवंत स्वतः स्थिर आनी अचल आशिल्यान तागेले वयर मनुष्यालि श्रद्धा आनी भक्ति आसल्यार तो प्राणाचि निस्पंद अवस्था, नेत्राचि निष्पलक अवस्था आनी चित्ताचि निर्विकल्प अवस्था अनुभवता आनी जन्म-मरणाचे कालचक्रांतल्यान सुटकारो पावता. आनी परमात्मालागिचें स्थिर आनी अचल स्थान प्राप्त करुं शक्ता. *"वेदेषु यज्ञेषु तपःसु चैव दानेषु यत्पुण्यफलं प्रदिष्टम् । अत्येति तत्सर्वमिदं विदित्वा योगी परं स्थानमुपैति चाद्यम् ॥"* (गीता.८.२८).

(२०४). *अजः* - **कोणाक जन्म ना, तो.**

*"अजोऽपि सन्नव्ययात्मा भूतानामीश्वरोऽपि सन् । प्रकृतीं स्वामधिष्ठाय संभवाम्यमायया ॥"* (गीता.४.६). जन्म नासल्यारियी, अविनाशी आनी सर्व प्राणिजीवांचो स्वामी आसल्यारियी आपण्यालेंचि माया शक्तिचो आश्रय घेवनुं तो संभवता. पुण परमात्माक सामान्य जीवां तरेन जन्म ना. श्री मध्वाचार्यांनी सांगिल्ले तरेन *"वसुदेवसुतो नायं नायं गर्भेऽवसत् प्रभुः । नायं दशरथाज्जातो न चापि जमदग्नितः ॥ . . . प्रादुर्भावा हरेः सर्वे नैव प्राकृतदेहिनः निर्दोषगुणसंपूर्णा दर्शयत्यन्यथैव तु ॥"* (महाभारत तात्पर्यनिर्णय).

(२०५). *दुर्मर्षणः* - जो दुष्टांक केन्नांयी सहन करना, तो.

विश्व निर्माण केले नंतर ताजें नियमन करचे स्वातीर भगवंतान ऋत-धर्माचे नियमं घालनुं दिल्लिीं आसाचि. तांचे उल्लंघन जाल्लिें ताका केन्नांयी मान्य ना. शीघ्र किंवा समयान, केलिले कर्माचे फल तो दिले शिवाय उर ना. ऋत-धर्माचे योग्य रीतीन नियमन करचे स्वातीर भगवंत युगान युग अवतार घेता आनी पापींक प्रायश्चित आनी पुण्यवंतांक अनुग्रह दिता. अग्नि प्रवेश जाले शिवाय अशुद्धि दूर जायना. दुर्मर्षण स्वरूपान भगवान जीवात्माक अग्निदीक्षा दिता.

(२०६). *शास्ता* - जो शासनकर्ता आसा, तो.

ऋत-धर्माचे नियमं घालनुं दिले नंतर ते नियमांचे परिपालन जीवात्मांकडचान करनुं घेवचें, केलिल्यांक अनुग्रह आनी केलिले नाशिल्यांक प्रायश्चित दिवचें हें शासनकर्तालें कर्तव्य जावनुं आसा.

व्यापनशील विष्णूलें महान् कार्याविषय हांवु उलयतां. कोणें पृथिवी, अंतरिक्ष आनी स्वर्ग निर्माण केल्ली, कोणें विस्तीर्ण द्यूलोक अंतराळांतु सावरनुं धरलो, कोणें अग्नि, वायु आनी सूर्य स्थान तीन लोक पादाक्रांत केले, तागेलें स्तवन भक्त जन भक्तीन करताचि. *"यः पूर्व्याय वेधसे नवीयसे सुमज्जानये विष्णवे ददाशति । यो जातमस्य महतो महि ब्रवत् सेदु श्रवोभिर्युज्यं चिदभ्यसत् ।।* (१.१५६.२). जो मनुष्य प्राचीन आनी नित्य आसून विंग-विंगड जगं निर्माण करचे स्तवनीय विष्णूली आराधना करता, तो अन्नान आनी धनान समृद्ध जावनुं परमात्मालें परम पद पावता. *"आस्य जानन्तो नाम चिद्विवक्तन महस्ते विष्णो सुमतिं भजामहे ।।"* (१.१५६.३). सर्वांक नमनीय आशिलें विष्णु हें नांव आनी ते नावाचें सर्वव्यापकत्व, सर्वात्मकत्व जाणून संकीर्तन करका.

(२०८). *सुरारिहा:* - जो देवांले शत्रूंक नाश करता, तो.

विश्वनिर्माण कार्य सत्व-रज-तम हे तीन गुणांचे कोलाहलान सुरवात जाता. आनी एक ना दुसरे गुणप्राधान्याक लागून कामक्रोधमत्सरादि षड्रिपु मनुष्याले अंतरंग व्यापून आसताचि. सद्गुणांपेक्षां रज-तम मिश्रित गुणांचो भार जास्त आसता. देकून उपनिषदेंतु सांगचाक आयल्यां - *"द्वया ह प्राजापत्या देवाश्चासुराश्च । ततः कानीयसा एव देवा ज्यायसा असुराः । त एषु लोकेष्वस्पर्धत ।"* - प्रजापतीक दोन प्रजा आशिले - देव आनी असुर. देव थोडे आशिले आनी असुर जास्त. तांगेल्यांतु स्पर्धा आसतालि.

हे सर्धेतु दैवी वृत्तींक सहयोग दिवचें आनी असूरी वृत्तींतु व्यत्यय हाडचें हें विश्वनियामक श्री विष्णुलें काम जावनुं आशिल्यान ताका सुरारिहा हें नांव पडलें.

*गुरुर्गुरुत्तमो धाम सत्यः सत्यपराक्रमः ।*
*निमिषोऽनिमिषः स्रग्वी वाचस्पतिरुदारधीः ।। २३ ।।*

(२०९). *गुरुः* - जो अज्ञान दूर करनुं ज्ञानाचो प्रकाश पसरायता, तो.

गुरु हो शब्द *'गु'* - काळोख आनी *'रु'* - नाश करचें हे दोन मूल धातुवयल्यान निर्माण जाल्लिो आसा. देकून गुरु शिष्यांले अंतःकरणांतलें अज्ञान - काळोख - नाश करनुं थंय परम ज्योतीचो प्रकाश पसरायता. श्री विष्णु हे प्रकाशाचो प्रतीक आसून सूर्य हो तागेलें व्यक्त चिन्ह आसा.

*"शास्त्रेषु भारतं सारं तत्र नामसहस्रकम् । वैष्णवं कृष्णगीता च तद् ज्ञानान्मुच्यतेऽञ्जसा ।". "पार्थाय प्रतिबोधितां भगवता नारायणेन स्वयं व्यासेन ग्रथितां पुराणमुनिना मध्येमहाभारतम् । अद्वैतामृतवर्षिणी भगवतीं अष्टादशाध्यायिनीं अम्ब त्वामनुसंदधामि भगवद्गीते भवद्वेषिणीम् ।।"* हे तरेन परमात्मान श्री वेदव्यासांलो अवतार घेवनुं संसाराक ज्ञानाचें अमृत दिल्लिें आसा. *"व्यासं वसिष्ठनाप्तारं शक्तेः पौत्रमकल्मषम् । पराशरात्मजं वन्दे शुकतातं तपोनिधीम् ।। व्यासाय विष्णुरूपाय व्यासरूपाय विष्णवे । नमो वै ब्रह्मनिधये वासिष्ठाय नमो नमः ।।"*

(२१०). *गुरुत्तमः* - जो सर्व गुरुंतु परमोत्तम गुरु जावनुं आसा, तो.

*"यो ब्रह्माणं विधधाति पूर्वं यो वै वेदांश्च प्रहिणोति तस्मै । तां ह देवं आत्मबुद्धिप्रकाशं मुमुक्षुर्वै शरणं अहं प्रपद्ये ।।"* (श्वेताश्वतरोपनिषद.६.१८). कोणे पूर्वकाळांतु चतुर्मुख ब्रह्माक निर्माण केलें आनी वेदोपदेश केलो, ते आत्मबुद्धीन प्रकाशित आशिले देवाक हांवु मोक्षाचे इच्छेन शरण वतां.

(२११). *धाम* - जो अंतिम प्रकाशाचें उगम स्थान जावनुं आसा, तो.

*"अतो देवा अवन्तु नो यतो विष्णुर्वि चक्रमे । पृथिव्याः सप्त धामभिः ।।"* (ऋ.१.२२.१६) - विष्णु आपण्याले सात तेजःपुंज आनी विविध किरणांनी हे पृथिवीवयर आमगेलें रक्षण करूं. *'धाम'* महळ्यार स्वरूप अशें श्री मध्वाचार्य भाष्य करताचि. *"धाम स्वरूपं । तेजः स्वरूपं च गृहं प्राज्ञैर्धामेति गीयते ।"* (गीता भाष्य).

(२१२). *सत्यः* - जो नित्य अस्तित्वांतु आसचें तत्व आसा, तो.

श्री विष्णुले सत्वस्रूप नित्य आनी अविनाशी आसून तो *'सत्यस्य सत्यम्'* आसा. *"हिरण्मयेन पात्रेण सत्यस्यापिहितं मुखम् । तत् त्वं पूषन्नापावृणु सत्यधर्माय दृष्टये ॥"* - सत्याचे तोंड भांगराचे आवरणान झांकिल्ले आशिल्यान सत्याचें दर्शन करचो साधक देवाक ते आवरण दूर कर म्हण्णुं प्रार्थना करता. *"सत्यव्रतं सत्यपरं त्रिसत्यं योनिं निहितं च सत्ये । सत्यस्यं सत्यं ऋतसत्यनेत्रं सत्यात्मकं त्वां शरणं प्रपद्ये ॥"* - सत्य कोणांले व्रत आसा, सत्यांतु जो तत्पर आसा, तिन्नींयी काळ्ांतु जो सत्यस्वरूप आसा, सत्याचो जो उगम स्थान जावनुं आसा, सत्यांतु जो सदा आसता, सत्याचोबी जो सत्य आसा, सत्य आनी ऋत कोणांले दोळे जावनुं आसाचि, तसले ते सत्य आत्माक हांवू शरण वतां.

(२१३). *सत्यपराक्रमः* - सत्य हेंचि कोणांले पराक्रम जावनुं आसा, तो.

सत्यशील केन्नांयी पराक्रमी आनी विजयी आसता. *"सत्यमेव जयते नानृतम् । सत्येन पंथा विततो देवयानः ॥"* - सत्यचि विजयी आसता, असत्य न्हंय. सत्याचो प्रकाश मार्ग विस्तरित करता.

(२१४). *निमिशः* - कोणांलि दृष्टी अंतर्मुख आसता, तो.

श्री शंकराचार्य *निमिषः* शब्दाचो अर्थ *"निमीलिते यतो नेत्रे योगनिद्रारतस्य अतः निमिषः ।"* विश्वाचे प्रलय जालें नंतर श्रीमन्नारायणान योगनिद्रेंतु दोळे झांकिल्यान तो निमिष. *"उदाप्लुतं विश्वमिदं तदाऽऽसीद् यन्निद्रयामीलितदृङ् न्यामीलयत् । अहीन्द्रतल्पेऽधिशयान एकः कृतक्षणः स्वात्मरमो निरीहः ॥"* हे तरेन भागवत पुराणांतु श्रीमन्नारायणाले योगनिद्रेचें वर्णन केलिली आसा.

(२१५). *अनिमिशः* - जो नित्य जागृत किंवा प्रवृत्त आसता, तो.

*'नित्यप्रवृद्धस्वरूपत्वात् अनिमिषः'* म्हण्णुं श्री शंकराचार्य विश्लेषण करताचि. काल हो नित्य प्रवृत्त स्वरूपांतु आसता. देकून परमात्माक काल म्हण्णुं संबोधन करताचि. *"कालोऽस्मि लोकक्षयकृत्प्रवृद्धो लोकान्समाहर्तुमिह प्रवृत्तः ।"* (गीता.११.३२). वर्तमानकालांतूचि परमात्मालें अनिमिष स्वरूपाचें दर्शन जाता; भूतकालांतु तो साक्षात्कार स्मरणशक्तींतु लीन जाता. भविष्य कालांतु तो साक्षात्कार अजून अनुभववचो आसता.

भागवत पुराणांतु काल शब्दाक मायाशक्तीचो द्रिश्टीकोन दिलिलो आसा. *"कालसंज्ञा तदा देवी बिभ्रच्छक्तिमुरुक्रमः । त्रयोविंशतितत्वानां गणं युगपदाविशत् ।"* - परमात्मा आपण्याले काल नांवांचे दैवीरूप धारण करनुं तेवीस तत्वांतु प्रवेश करता. देकून परमात्मा वर्तमान कालांतूचि विश्वाचो प्रवर्तक जावनुं आसता.

(२१६). *स्रग्वी* - जो वैजयन्तिमाला धारण करता, तो.

भगवंताले आभरणांपैकी तागेले गळ्यांतलि वैजयन्तिमाला तागेले मायाशक्तीचे प्रतीक आनी अनेक गुणांचे समूह म्हण्णुं संकेत करता. *"स्वमायां वनमालाख्यं नानागुणमयीम् दधत् ।"*

(२१७). *वाचस्पतिः* - जो वाणीचो स्वामी आसा, तो.

अनंत सागरांतु आपण्याले योगनिद्रेंतु आशिले श्रीमन्नारायणाले हृदयाचे स्पंदन *ॐकार* नादान दुमदुमतालें. देकून ॐकाराक नादब्रह्म म्हणताचि. नादाचो अविष्कार वाणीमुखांतर जावत आसून परमात्मा ताजो अधिपति आसता. *"बृहस्पते प्रथमं वाचो अग्रं यत् प्रैरत नामधेयं दधाना । यद् एषां श्रेष्ठं यद् अरिप्रम् आसीत् प्रेणा तद् एषां निहितं गुहाविः ॥"* (ऋ.१०.७१.१).

**(२१८). *उदारधी.* - कोणांली बुद्धि उदार आसा, तो.**

*वाक्* शक्तीक *धी* शक्तीचो आधार मेळिल्यान परमात्माले नाम-रूपांचे वैभव पसरता. हें ज्णून श्री विष्णुचि आराधना करका. *"तद्धेदं तर्ह्यव्यकृतमासीत् । तन्नामरूपाभ्यामेव व्याक्रियत असौनामाऽयमिदंरूप: इति ॥"* (बृहदारण्यकोपनिषद).

*अग्रणीर्ग्रामणी: श्रीमान् न्यायो नेता समीरण: ।*
*सहस्रमूर्धा विश्वात्मा सहस्राक्ष: सहस्रपात् ॥ २४ ॥*

**(२१९). *अग्रणि:* - जो सर्वा पेक्षां मुख्यार आसा, तो.**

*"ब्रह्म वा इदमग्र आसीत् ।"* - सर्वांपयलें जो ब्रह्म आसता तो चतुर्मुख ब्रह्म नासताना श्री विष्णु म्हण् समजका. ***"यदा पश्य: पश्यते रुग्मवर्णं कर्तारमीशं पुरुषं ब्रह्मयोनिम् । तदा विद्वान् पुण्यपापे विधूय निरंजन: पर साम्यमुपैति ॥"*** - जेन्नां द्रष्टा भांगरारंगाचे, कर्तुत्ववान् पुरुषाक, ब्रह्मादिदेवांलोवी जन्मदाताक पळयता तेन्नां ताका तें ज्ञानी जावनुं सर्व पापपुण्य धूवनुं काडता आनी निर्दोश असलें परमात्म-साम्य मेळयता.

*"यज्ञो वै विष्णु:"* - यज्ञ म्हळ्यार साक्षात् विष्णु आसून तो सर्व देवांतु अग्रणि आसून अन्य देव तागेले नंत प्राधान्यत्व प्राप्त करताचि म्हण्णुं ऐतरेय ब्राह्मणांतु सांगल्या. *"अग्निर्वै देवानामवमो विष्णु: परम: । तदन्तरेण सर्वा अन्य देवता: ।"*

**(२२०). *ग्रामणी:* - जो संसाराचो संचालक आसा, तो.**

विश्व आनी सर्व भूतजात निर्माण करनुं तांगेलें चैतन्य जागोवनुं तांगेले संचालन भगवंतूचि करता. देकून आपू कर्ता नासताना परमात्माचि सर्व कांय करता म्हण्णुं मनुष्यान जाणचाक जाय. *"नाहं कर्ता हरि: कर्ता तत्पूजा क चाखिलम् । तथापि मत्कृता पूजा तत्प्रसादेन नान्यथा ॥"* (श्री मध्वाचार्य - महाभारत तात्पर्य निर्णय). आपूण अस्वत आनी केवल निमित्तमात्र आसा म्हण्णुं जेन्नां तो जाणता तेन्नां तागेले ज्ञानोदय जाता आनी श्री विष्णुलें परमपद प्राप करता.

**(२२१). *श्रीमान्* - जो लक्ष्मीदेवीले सहवासांतु सदा आसता, तो.**

शक्ति आनी श्री विष्णूंतलो संबंध वस्तु आनी स्वामीचो आसून तो परमात्माले *अहेयत्व* शब्दान संकेत जात शक्तिशिवाय कोणियी शक्तिमान जावूं शकना. ती सूक्ष्म आसून केवल परिणामांतूचि प्रत्यक्ष जाता. जेन्नां ती लक्ष्य येता ती *'लक्ष्मी'* म्हणोवनुं घेता आनी जेन्नां ती भगवंताले आधीन आसता तेन्नां तिका *'श्री'* म्हणचांतु येता. भगवंता आधीन नाशिली *'श्री'*, *'अलक्ष्मी'* आसून ती विष्णुले सहवासाक वंचित आसता. केवल श्री सदाकाल विष्णुलां आशिल्यान ताका *'श्री-मान्'* म्हणचांतु येता.

**(२२२). *न्याय:* - जो यथायोग्य न्याय दिता, तो.**

*'नियमेन ईयते इति न्याय'* - नियमांचे मुखांतर जें निश्चय करचांतु येता तें न्याय जावनुं आसा. विश्व नियमा *'ऋत'* आनी सर्व देवतेंक *'ऋतस्य गोपा:'* म्हणचांतु येता. वस्तूंचें अस्तित्व केवल परमात्माक लागून जात आशिल्या तोचि धर्म नियमांचो प्रवर्तक आनी न्यायाधीश आसा.

**(२२३). *नेता* - जो संसार मुख्यार घेवनुं वता, तो.**

सामान्य मनुष्याले मन इन्द्रियांचे प्रभावाक लागून प्रेरित जाता. *"आत्मानं रथिनं विद्धि शरीरं रथमेव च । बुद्धिं तु सारथी विद्धि मन: प्रग्रहमेव च ॥ . . . विज्ञानसारथिर्यस्तु मन:प्रग्रहवान् नर: । सोऽध्वन: पारमाप्नोति तद्विष्णो: पर*

*पदम् ॥"* (कठोपनिषद.१.३.३ आनी ९). पुण जो जीव केवल रथिक, शरीर एक रथ, बुद्धि हो सारथी आनी मन ही दोरी म्हण्णुं समजता तोचि परमात्माले आश्रया सकयल मनाचि चंचलता निमंत्रणेंतु दवरनुं संसाराचे अंतिम श्रेय, श्री विष्णुले परम पद, प्राप्त करता.

**(२२४). *समीरण:* - जो सम्यक् आनी प्रगतिशील प्राणवायु जावनु आसा, तो.**

प्राणवायु जीवनाचें चैतन्य प्रेरित करत आशिल्यान तो नैसर्गिक सारथी आसा. मंत्रांतु आसचि चैतन्य शक्ति प्राणवायुचे प्रेरणेक लागूनचि जागी जाता. पुण हे सामर्थ्य स्वत: प्राणवायूचे नासताना श्री विष्णुले संयोगान आसता *"न केवलं प्राण एव चेतनानां विधारक: । किंतु विष्णुं समाश्रित्य प्राणो जीवान् भिभर्त्ययं ॥ अतो मुख्याश्रयो विष्णु: चेतनानां स्वतंत्रत: ॥"* (श्री मध्वाचार्य कठोपनिषद्भाष्य). सर्व देवांपेक्षां वायुदेव श्रेष्ठ आशिल्यान तागेले मुखांतर श्री हरीलि उपासना करका म्हण्णुं छांदोग्योपनिषद्भाष्यांतु श्री मध्वाचार्य सांगताचि. *"यस्माद् वायौ स्मृतो विष्णु: वायोर्मुख्यतयाखिलात् । स्वस्य मुख्यतया तस्मात् परां तुष्टिं गमिष्यति ॥"*

**(२२५). सहस्रमूर्धा - जो हजारपटीन बुद्धिमान् आसा, तो.**
**(२२६). *विश्वात्मा* - विश्वचि कोणांले आत्मस्वरूप आसा, तो**
**(२२७). *सहस्राक्ष:* - जो हजारपटीन द्रश्टा आसा, तो.**
**(२२८). *सहस्रपात्* - जो हजारपटीन पादक्रमण करता, तो.**

२२५ ते २२८ पर्यंतचे नांवांतु पुरुष सूक्तांतले श्री विष्णुले विराटस्वरूप वर्णनाचि प्रतिध्वनि आयकुवचांतु येता. *"सहस्रशीर्षा पुरुष: सहस्राक्ष: सहस्रपात् । स भूमिं विश्वतो वृत्वाऽत्यतिष्ठद् दशाङ्गुलम् ॥"* (ऋ.१०.९०.१). हांगा *'सहस्र'* शब्दाचो अर्थ अनेक, अगणित म्हण्णुं आसा. सर्व भूतगणांतु आत्मस्वरूप आशिलो परमेश्वर आसा. *"सर्वभूतस्थं आत्मानं परमेश्वरं । सर्वभूतानि च आत्मनि परमेश्वरे । तं च परमेश्वरं ब्रह्मतृणादौ ऐश्वर्यादिना साम्येन पश्यति ॥"* (मध्वाचार्य - गीताभाष्य).

*आवर्तनो निवृत्तात्मा संवृत: सम्प्रमर्दन: ।*
*अह:संवर्तको वह्निरनिलो धरणीधर: ॥ २५ ॥*

**(२२९). *आवर्तन:* - जो सृष्टीचें चक्र फिरयता, तो.**

स्रिश्टि निर्माण-विनाशाचे कालचक्र ऋत आनी सनातान धर्म नियमांक लागून अव्याहत चलत आसता. देव आनी मनुष्यांमदले संबंध आनी कर्तव्यकर्माचि जाणीव यज्ञसंस्थेचे मुखांतर दाखोवनु दिलिली आसा. *"ईश्वर: सर्वभूतानां हृद्देशेऽर्जुन तिष्ठति । भ्रामयन् सर्वभूतानि यन्त्रारूढानि मायया ॥"* (गीता.१८.६१). भ्रामयन् शब्दाचो अर्थ दुर्बोध करचें म्हण्णुं नासताना परमात्माले संकल्पशक्तीक लागून भ्रमण करता म्हण्णुं समजचें जास्त उचित आसा. कारण भगवंतूचि सांगता कीं जो मनुष्य ताणें घालनुं दिलिले ऋत धर्माचें परिपालन करनासताना कर्तव्यकर्माचि अवहेलना करता तागेले जीवन व्यर्थ आसा. *"एवं प्रवर्तितं चक्रं नानुवर्तयतीह य: । अघायुरिन्द्रियारामो मोघं पार्थ स जीवति ॥"* (गीता.३.१६).

**(२३०). *निवृतात्मा* - जो सर्व बन्धनांतल्यान मुक्त आसचो आत्मा आसा, तो.**

श्री कृष्ण गीतेंतु परत परत स्पश्ट करता *"न मे पार्थास्ति कर्तव्यं त्रिषु लोकेषु किञ्चन । नानावाप्तमवाप्तव्यं वर्त एव च कर्मणि ॥"* (३.२२). *"न मां कर्माणि लिम्पन्ति न मे कर्मफले स्पृहा ।* (४.१४). *"मत्त एवेति तान्विद्धि न त्वहं तेषु ते मयि ।"* (७.१२). देकून जो मनुष्य आपण्यालें कार्य आनी कारण दोन्निंयी भगवद्रूप करता तोचि परमात्माले सान्निध्य मेळयता. *"चेतसा सर्वकर्माणि मयि संन्यस्य मत्पर: । बुद्धियोगमुपाश्रित्य मच्चित्त: सततं भव ॥"* (१८.५७).

## (२३१). *संवृतः* - जो आच्छादित किंवा झांकलेलो आसा, तो.

परमात्मालें वैभवाचें ज्ञान सर्वांक समजना. *"नाहं प्रकाशः सर्वस्य योगमाया समावृतः ।"* तागेले योगशक्तीक लागून तें झांकिल्ले आशिल्यान *आवर्तन, निवर्तन आनी संवर्तन* हे तीन तरेन इच्छा, ज्ञान आनी क्रिया रूपान प्रगट जाता. परमात्माले इच्छाशक्तिचे आवर्तन जाल्लिो परमात्मालें स्वरूप सादृश्य जाता. तागेले ज्ञानैश्वर्याचे निवर्तन जालें कीं विश्वाचो विनाश जावनुं जीव परमात्माले उदरांतु परत प्रवेश करता. तागेले क्रियाशक्तीचें संवर्तन जालें कीं संसारावयरचो असामान्य, व्यापक वैष्णवी शक्तीचो प्रभाव अविष्कार सखोल आनी विस्तारान अनुभवचता. देकून *"सर्वधर्मान्परित्यज्य मामेकं शरणं व्रज । अहं त्वा सर्वपापेभ्यो मोक्षयिष्यामि मा शुचः ॥"*(१८.६६) सृष्टीचे पेलतडेन आशिले भगवंतास्तातीर भगवंतान सृष्टी नियंत्रणे खातीर घावनुं दवरिले सर्व विधी नियमांचो सुद्धां त्याग करनुं तागेले शरण वचका.

## (२३२). *संप्रमर्दनः* - जो जीव-जगत् योग्य रीतीन नियंत्रणेंतु दवरता, तो.

*"समोऽहं सर्वभूतेषु न मे द्वेष्योस्ति न प्रियः ।"* (गीता.९.२९). सर्व प्राणिजीवां विशय तो समसमान भावनेन वागता. *"नास्यभक्तोऽपि यो द्वेष्यो न चाभक्तोऽपि यः प्रियः । किंतु भक्त्यनुसारेण फलदोऽतः समो हरिः ॥"* - परमात्मा मनुष्याले भक्तीक अनुसरून योग्य तें फल दीत आशिल्यान तांगेलि प्रति तागेलि सम-भावना आसा. निर्माण केल्लिें विश्व योग्य रीतीन नियंत्रणेंतु आसल्यारि तें उर्ध्वगतीक पावू शक्ता.

## (२३३). *अहःसंवर्तकः* - अहः म्हळ्यार प्रकाशाचें नियंत्रण जो करता, तो.

विश्वाचे सर्जन जे तरेन प्रकाशाक लागून जाता तेचि तरेन जीवाची उर्ध्वगती विष्णुले अनुग्रहाक लागूनचि जाता. श्री कृष्ण गीतेंतु (८.२४-२५) सांगता *"अग्निर्ज्योतिरहः शुक्लः षण्मासा उत्तरायणम् । तत्र प्रयाता गच्छन्ति ब्रह्म ब्रह्मविदो जनाः ॥ धूमो रात्रिस्तथा कृष्णः षण्मासा दक्षिणायनाम् । तत्र चान्द्रमसं ज्योतिर्योगी प्राप्य निवर्तते ॥"* दर एक म्हैन्याचे पंदरा दीस शुक्ल पक्षाचे आनी पंदरा दीस कृष्ण पक्षाचे आसताचि. शुक्ल पक्ष प्रकाश आनी ज्ञानाचो प्रतीक आसून कृष्ण पक्ष अंधःकार आनी अज्ञानाचो प्रतीक आसून अध्यात्म उन्नती आनी आनतीचे हे दोन मार्ग आसाचि. *"एकया यात्यनावृत्तिमन्यााऽऽवर्तते पुनः ।"* (८.२६) - एक मार्गान गेल्लिले मनुष्य संसारांतु परत येना दुसरे मार्गान गेल्लिो मनुष्य संसारांतु परत परत येता. *"मार्गौ ब्रह्म च यः पश्येत् साक्षादेवापरोक्षतः । सर्वपुण्यातिगोऽमुहयन् यात्यसौ ब्रह्म तत्परं ॥"* - जो मनुष्य हे मार्ग आनी ब्रह्मत्व अपरोक्ष ज्ञानान अनुभवता तो सर्व श्रेया पेक्षां श्रेष्ठ श्रेय - श्री विष्णुलें परम पद मेळ्यता म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य गीतातात्पर्यांतु सांगताचि.

## (२३४). *वह्निः* - जो तेजाचे कण जावनुं आसा, तो.

वह्नि, वायु आनी पृथ्वी हे तीन शब्द एकमेकांक पूरक आसाचि. वह्नि म्हळ्यार केवल उज्याचि कीट न्हंय तर तेजाचि प्रवृत्तशक्ति जावनुं आसा; वायु केवल वारो न्हंय तर प्रेरणेचि प्रगतशक्ति आनी पृथ्वी केवल जमीन न्हंय तर स्थिरतेचि धारकशक्ति. स्रिष्टींतले दर वस्तूंतु परमात्माले हे अप्रतिम आनी अप्रमेय शक्तिचो प्रादुर्भाव पूर्णतः किंवा अंशतः जाल्लिो आसता. "यः प्रादुर्भावगो विष्णुः देहादिषु च संस्थितः । स एव मूलरूपश्च साक्षान्नारायणाभिदः । मूलरूपश्च यो विष्णुः प्रादुर्भावादिगश्च ॥" (श्री मध्वाचार्य - काठकोपनिषद्भाष्य) - जीव-जगतांतु स्थित्यंतर आसल्यारियी तागेले मूल रूपांतु आनी अवतारूपांतु स्थित्यंतर आसना. बिम्ब आनी प्रतिबिम्बांतलो फरक तो श्री विष्णु आनी जीव-जगतांतु मात्र आसता. वास्तविक परमात्मा आनी तागेले अवतारांतु फरक पोळेवचें हे अज्ञानाचें वक्षण जावनुं आसा.

## (२३५). *अनिलः* - जो जीवांतलो प्राणवायु जावनुं जीवांक प्रेरित करता, तो.

*"आकाशो ह वा एष देवो वायुरग्निरापः पृथिवी वांग्मनश्चक्षुः श्रोत्रं च ।"* (प्रश्नोपनिषद). भगवंताले मूल रूप अग्नि, वायु, आप, पृथ्वी आनी आकाशाचे प्रतिरूपान व्यक्त जाल्लिें आसा. *"स एषो वैश्वानरो विश्वरूपः प्राणोऽग्निरुदयते ।"* (षट्प्रश्नोपनिषद). *"अहं वैश्वानरो भूत्वा प्राणिनां देहमाश्रितः । प्राणपानसमायुक्तः पचम्यान्नं चतुर्विधम् ॥"* (गीता.१५.१४). देकून वायुदेव परमात्मालो प्रतिनिधी आशिल्यान तागेलें कार्यांतु परमात्मालो आवेश अनुभववका. तेन्नांचि विष्णुलें व्यापकत्वाचें अपरोक्षज्ञान प्राप्त जाता.

**(२३६). *धरणीधरः* - जो पृथ्वी धारण करता, तो.**

विश्वाचो निर्माण केलिलो तोचि ताजें धारण- पोषणबी करता. *"प्रधानश्च स्वतंत्रश्च तन्मूलमखिलम् जगत् । तदाधारं विमुक्तौ च तदधीनं सदा स्थितम् । स सूक्ष्मो व्यापकः पूर्णः तदीयमखिलं जगत् ॥"* तोचि सूक्ष्म रीतीन सर्वांतु आसून तागेले आधारान आनी तागेले आधीन आसूनचि सर्व कांय जगता, वाढता आनी मोक्ष पावता.

*सुप्रसादः प्रसन्नात्मा विश्वधृग्विश्वभुग्विभुः ।*
*सत्कर्ता सत्कृतः साधुर्जह्नुर्नारायणो नरः ॥ २६ ॥*

**(२३७). *सुप्रसादः* - जो अत्यंत कृपालु आनी अनुग्रहित आसा, तो.**

भगवंत अत्यंत दयालू आसून अनंत भक्तांले अनंत प्रार्थना आपण्याले अनंत हस्तान प्रसाद दीवनुं पूर्ण करता. पुण देवान अनंत हातांनीं दिलिलो अनुग्रह जर आपण्याले दोन हातांनि स्वीकारचि सदिच्छा, सद्भावना, शक्ति किंवा योग्यता जर मनुष्याक ना तर ताणें आपण्याक परमात्मान दिलिलें तरी स्वीकारनुं सुख समाधान अनुभववचो विवेक आसचाक जाय. *"तेन त्यक्तेन भुंजीथाः मा गृधः कस्यस्विद् धनम् ।"* म्हण्णुं ईशावास्योपनिषद सांगता. हे मंत्रांतलो *'त्यक्तेन'* शब्दाचो अर्थ *'दत्तेन'* म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य करनुं, जे तरेन मनुष्याले कर्तुत्वांतु तारतम्य आसता ते तरेन तागेले फलप्राप्तिंतुबी तारतम्य आसता, म्हण्णुं स्पश्ट करताचि. हे लक्ष्यांतु घेवनुं दुसऱ्यांक प्राप्त जालिले धनाचि आशा कर न्हंय. *"मा गृधः कस्यस्विद्धनम् ।"*

**(२३८). *प्रसन्नात्मा* - कोणालो आत्मा सदा प्रसन्न आसता, तो.**

ज्ञानैश्वर्यांक लागून श्री विष्णु सदा तृप्त आसता. देकून मांडूकोपनिषदाचे *"भोगार्थं सृष्टिरित्यन्ये क्रीडार्थमिति चान्ये । देवस्यैष स्वभावोऽयं आप्तकामस्य का स्पृहा ॥"* हे मंत्रावयर भाष्य करताना श्री मध्वाचार्य म्हणताचि *"तस्यापि विष्णोः सृष्टिं तु केचिदाहुरनैपुणाः । अतृप्तस्यैव भोगार्थं क्रीडार्थं तु विपश्चितः । सा च क्रीडा स्वभावोऽस्य कुतोऽतृप्तस्य स्पृहा विभोः ॥"* - मूर्ख जन विष्णुन सृष्टी निर्माण केली ना - म्हण्णुं सांगतानाचि ताणें सृष्टी आपण्याले संतोषाखातीर निर्माण केलि अशें बी म्हणताचि. ज्ञानी जनांले मतान संकल्पस्फूर्ति भगवंतालो स्वभाव आसा. *"लोकवत्तु, लीलाकैवल्यम् ।"* म्हण्णुं ब्रह्मसूत्रांतु उल्लेख आसा. लीला हे शब्दाचो अर्थ संकल्पस्फूर्ति म्हण्णुं करका शिवाय बेजवाबदार प्रवृत्ति न्हंय. देकून असल आत्मतृप्ताक स्वयंचि अतृप्ती आसताली ?

**(२३९). *विश्वधृक्* - जो विश्वाचे धारण करता, तो.**
**(२४०). *विश्वभृक्* - जो विश्वांतले दर एक विशय भोग घेता, तो.**

हे दोन शब्द परमात्माले विश्वव्यापकत्वेचो प्रतिपादन करता. विश्व रचने नंतर ताजें नियमन, धारण-पोशण जर केलें ना तर मनुष्याले अहंकार, ईर्शा, मद, मत्सर, लोभ इत्यादि वातावरणाक लागून विश्वाचो नाश जाता. देकून भगवंतान ऋत-धर्मांचे यम-नियमांचे बंधन घातलीं आनी मनुष्याले आसूरी वृत्तीवयर नियंत्रण घातलें.

जो एक आसून विश्वांतु अनेक रूपान पसरल्यारियी विश्व अपूर्ण अशें मनुष्याक अनुभव जाता. जें *'अस्ति'* आसता तेंचि ***'भाति'*** - प्रकाशिता, पसरता. भागवत पुराणांतु चतुर्मुख ब्रह्म सांगता. *"यदास्य नाभ्यान्नलिनाद् अहमासं महात्मनः । नाविदं यज्ञसम्भारान् पुरुषावयवाद् ऋते ॥ . . . इति सम्भृतसम्भारः पुरुषावयवैरहम् । तमेव पुरुषं यज्ञं तेनैवायजमीश्वरम्"* - जेन्नां हांवु ते परमपुरुषाले नाभिकमलांतल्यान जन्माक आयलो तेन्नां यज्ञाखातीर ते परमपुरुषाले अवयव सोडल्यार विंगड कांयी माका मेळें ना. . . देकून ते अवयवांतल्यानचि सर्व यज्ञसामग्री घेवनुं हांवे ताकाचि ते अर्पण केले.

**(२४१). *विभुः* - जो सर्वव्यापक परम आत्मा आसा, तो.**

*"हिरण्यगर्भादिरूपेण विविधं भवतीति विभुः ।"* म्हण्णुं श्री शंकराचार्य *विभु* शब्दाचो अर्थ करताचि. विविध रीतीन प्रभावित जायत आशिल्यान तो विभु आसा. *"विभु प्रभु प्रथमं मेहनावत् । न ह्येव प्राभवत् विविधोऽभवत् ।"* हे शास्त्र वचनाचो उल्लेख श्री मध्वाचार्य करताचि.

**(२४२). *सत्कर्ता* - जो जीवांक सत्कार्यादिकान प्रेरित करता, तो.**

**(२४३). *सत्कृतः* - जो सत्कार्याक लागून स्वतः सत्कर्म जावनुं आसा, तो.**

परमात्मा सत्यस्वरूप आशिल्यान तागेलो संकल्प, संकल्पाक लागून शक्ति, इच्छा, ज्ञान आनी क्रिया सर्व सत्यस्वरूप आता. तागेले पांच कर्ता आनी पांच कारण मानचांतु येताचि - सत्य, मन, बुद्धि, चित्त आनी अहंकार हे पांच कर्ता आसून तांतूतल्यान पांच कर्मेन्द्रियं, पांच ज्ञानेन्द्रियं आनी पांच वायु तत्वं प्रेरित जाताचि.

**(२४४). *साधुः* - कोणांलें स्वरूप सात्विक आसा, तो.**

भगवंताले सत् स्वरूप सूक्ष्म आसून संसाराचे कल्मशान तें विकृत जायना. *"यथा सर्वगतं सौक्ष्म्यादाकाशं नोपलिप्यते । सर्वत्रावस्थितो देहे तथात्मा नोपलिप्यते ॥"* (गीता.१३.३३). देकून ताका साधु - कोणालि भावना सत् प्रवृत्त आसा - म्हण्णुं संबोधन करताचि. *"सद् भावे साधुभावे च सदित्येतत्प्रयुज्यते । प्रशस्ते कर्माणि तथा सच्छब्दः पार्थ युज्यते ॥"* (गीता.१७.२६)

**(२४५). *जन्हुः* - जो जीवांलि अशुभ प्रवृत्ती नाश करता, तो.**

तो साधु आशिल्यान तागेले स्पर्शान सर्वांले प्रवृत्तींतले अशुभ नाश जाता, जे तरेन सूर्य उदयाक आयले कीं काळोखाचो नाश जाता. संसारांतले सर्व विषयांवयर सात्विकता स्पर्श जालिल्यान मनुष्यालि दृश्टी नितळ आनी प्रवृत्ती पवित्र जाता. हे तरेन सत्पथावयर आशिले साधकाक पराजय ना. *"पार्थ नैवेह नामुत्र विनाशस्तस्य विद्यते । न हि कल्याणकृत्कश्चिद् दुर्गतिं तात गच्छति ॥ प्राप्य पुण्यकृतां लोकानुषित्वा शाश्वतीः समाः । शुचिनां श्रीमतां गेहे योगभ्रष्टोऽभिजायते ॥ अथवा योगिनामेव कुले भवति धीमताम् । एतद्धि दुर्लभतरं लोके जन्म यदीदृशम् ॥"* (६.४०-४२). आपण्याले भक्तांले हिताचे चिंतन करचें सत्यस्वरूप भगवंतालो गुधर्म जावनुं आसा. *"तेषां सततयुक्तानां भजतां प्रीतिपूर्वकं । ददामि बुद्धियोगं तं येन मामुपयांति ते ॥"* (१०.११).

जे तरेन सोनार भांगरांतले कल्मश काढनुं ताका यथोचित आकार दिताचि ते तरेन परमात्मा मनुष्यांतले अशुद्धता नाश करनुं ताका अध्यात्म ज्ञानास्तातीर तयार करता म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य एक यथोचित उदाहरण दिताचि - *"स्वर्णकारो यथा स्वर्णमलमग्नौ निहत्य च शुद्धेन तेन चात्मेष्टं कुरुते रूपमंजसा । एवं स भगवान् विष्णुर्जीवस्वर्णस्य यन्मलम् । अविद्याकामकमाद्यमात्माग्नौ नाश्यं सर्वकृत् । स्वेच्छया कुरुते रूपं यद् योग्यं तस्य मुक्तिगं ॥"*

**(२४६). *नारायणः* - जो पंच तत्वांक आपण्यांतु आश्रय दीवनुं अनंतसागरांतु निवास करता, तो.**

*"यच्च किंचित् जगत् सर्वं दृश्यते श्रुयतेऽपि वा । अन्तर् बहिश्च तत् सर्वं व्याप्तं नारायणः स्थितः ॥"* म्हण्णुं नारायणोपनिषदांतु व्याख्या केल्लिी आसा. नारायण शब्दाचो अर्थ अनेक रीतीन केल्लिो आसा. *"नारं जीवसमूहः अयनं यस्य ।"* - जो जीवसमूहांक आश्रय दिता, तो. *"नारस्य अयनं प्रवृत्तिः यस्मात् ।"* - जीवसमूहांक जो प्रेरित करता, तो. *"नारं अयते जानाति ।"* - जो सर्व जीवांचो साक्षिस्वरूप आसा, तो, इत्यादि.

भागवत पुराणांतु श्रीमन्नारायणान अनंतसागरांतु निवास करचो उल्लेख आसा. *"पुरुषोण्डं विनिर्भिद्य यदासौ स विनिर्गतः । आत्मनोऽयनमन्विच्छन्नपोऽस्राक्षीच्छुचिः शुचिः ॥ तास्ववात्सीत् स्वसृष्टासु सहस्रपरिवत्सरान् । तेन नारायणो नाम यदापः पुरुषोद्भवाः ॥"* - ते हिरण्यगर्भांतल्यान निर्माण जावचे पयलें ताणें आसचे उदकाक *नार* म्हण्णुं संबोधन करताचि. सृष्टी निर्माण करचे पयलें तो सहस्रान् सहस्र युगं उदकांतु निवास करत आशिल्यान तो नारायण आसा.

(२४७). *नरः* - जो परतत्व लागीं हाडता, तो.

*"नृणाति प्रापयति इति नरः ।"* पुण एक जीवाक मनुष्य जन्म मेळ्ळे म्हण्णुं मोक्ष मेळ्ना. मोक्ष आनी परमपद साधकाले तपाक आनी गुरूलो अनुग्रह आनी परमात्माले प्रसादाक लागूनचि प्राप्त जाता. *"तपःप्रभावात् देवप्रसादात्"* म्हण्णुं श्वेताश्वतरौपनिषदांतु म्हळ्यां. *"तद्विद्धि प्रणिपातेन परिप्रश्नेन सेवया । उपदेक्ष्यन्ति ते ज्ञानं ज्ञानिनस्तत्वदर्शिनः ॥"* म्हण्णुं गीता (४.३४) सांगता.

*असंख्येयोऽप्रमेयात्मा विशिष्टः शिष्टकृच्छुचिः ।*
*सिद्धार्थः सिद्धसंकल्पः सिद्धिदः सिद्धिसाधनः ॥ २७ ॥*

(२४८). असंख्येयः - जो संख्याचे पेलतडेन आसा, तो.

भगवंताले गणीत संख्यान करचें शक्य ना. स्वतः श्री कृष्ण स्पश्ट करता, *"हन्त मे कथयिष्यामि दिव्या ह्यात्मविभूतयः । प्राधान्यतः कुरुश्रेष्ठ नास्त्यन्तो विस्तरस्य मे ॥"* (गीता.१०.१९). देकून 'सहस्राक्षः सहस्रपात्' हे शब्द अनंतवाची, अद्वितीय, अप्रमेय म्हण्णुं समजचे नडता, संख्येन गणीत केलें म्हण्णुं न्हंय.

(२४९). *अप्रमेयात्मा* - कोणांले वर्णन करचाक जायना, तो.

खंयचेयी एक वस्तुचें वर्णन करचें आसल्यार पयलें *प्रमाता, प्रमाण* आनी *प्रमेय* हे तीघांचो उपयोग करचो आसता. *प्रमाता* म्हळ्यार जो मापता, तो. *प्रमाण* म्हळ्यार मापचें माध्यम, आनी *प्रमेय* म्हळ्यार मापचांतु येवची वस्तु. श्री मध्वाचार्य बृहदारण्यकोपनिषद्भाष्यांतु स्पष्ट करताचि *"ततत्वादेकरपत्वात् तत् परं ब्रह्म प्रकीर्तितम् । तदेव तादृशं प्रोक्तं नैवान्यत् तादृशं क्वचित् । तदेदत् सत्यमेवासीत् वासुदेवाख्यमव्ययम् ॥"* - तो एकसमरूपाचो आशिल्यान ताका परब्रह्म म्हण्णुं वर्णन करचांतु येता. तागेले तसलो तोचि आसता आनी तागेले समान विंगड कोणिंयी नांचि, देकून तो वासुदेव नांवान प्रख्यात आशिलो सत्य आसा.

(२५०). *विशिष्टः* - जो विशेष गुणांचो आसा, तो.

*"विश्वनामा स भगवान् यतः पूर्णगुणः प्रभुः ॥"* पद्मपुराणांतले हें वचनाक अनुसरून *"नारायणाय परिपूर्णगुणार्णवाय विश्वोदयस्थितिलयोन्नतिप्रदाय । ज्ञानप्रदाय विबुधासुरसौख्यदुःख सत्करणाय विताताय नमोनमस्ते ॥"* महाभारत तातपर्यनिर्णयाचे मंगलाचरणांतले श्री मध्वाचार्याले निवेदन यथार्थ दिसता.

(२५१). *शिष्टकृत्* - जो साधकांक सुसंस्कृत करता, तो.

जन्माक आयिले तेन्नांचान मनुष्य अहंकार आनी षड्गुणांनी प्रभावित जायत आपण्यालो संसार चलयता. तागेले मनावयर मोहमायेचो पडदो आशिल्यान ताका सतःचें स्वरूपाचें ज्ञान आसना. देकून जेन्ना जेन्नां ज्ञानावयर अज्ञानाचें आवरण पडता तेन्नां तेन्नां भगवंत अवतार घेता आनी धर्म, जे मनुष्यांक ज्ञानाचे संस्मरण करनु दिताचि, परत प्रस्थापित करता.

भगवंत स्वभावान *'ज्ञानप्रदाय'* इतलोचि न्हंय तर *'विबुधासुरसौख्यदुःखसत्करणाय'* हे कारणांक लागून सुद्धां अवतार आसा. प्राकृत मनुष्याक सु-संस्कृत करचें म्हळ्यार मनुष्याले मानस आनी काळजांतु आशिलें कल्मश दूर करनुं थंय परमज्योतिचो प्रकाश पसरावचें. देवान मोक्ष प्रदान करचें म्हळ्यार मनुष्याकडेन नाशिलो वस्तु ताका दिवचो म्हण्णुं नासताना जीवाक आपण्याले निजस्वरूपाचो साक्षात्कार करनुं दिवचो आसता.

**(२५२). *शुचिः* - जो शुद्ध पवित्र स्वरूप आसा, तो.**

भगवान श्री विष्णु पवित्रतेचो मूर्त स्वरूप आसा. देकून गीतेंतु ताका ***'पवित्राणां पवित्रं मङ्गलानां मङ्गलं'*** म्हण्णुं संबोधन करचांतु आयल्यां. तेचि तरेन तागेले नामस्मरणबी पवित्र आसा. *"यः समरेत् पुण्डरीकाक्षं स बाह्याभ्यन्तरः शुचिः ।।"*

**(२५३). *सिद्धार्थः* - जो सर्व सिद्धींचो लक्ष्य आसा, तो.**

परमात्मा सर्व शक्तिमान्, सर्वव्यापी, स्वयंसिद्ध आनी सहजसिद्ध आसून तो साधकांले सिद्धींचें लक्ष्य आसा. तागेलें स्वरूप स्वेच्छामयी आशिल्यान तो स्वयंचेयी नियमांचे किंवा कर्मांचे आधीन ना. *"येनाश्रुतं श्रुतं भवत्यमतं मतमविज्ञातं विज्ञातं ।"* (छांदोग्योपनिषद्). आश्रमांतु विद्याभ्यास केलिले श्वेतकेतूंतु अहंकार आयिलो पोळोवनुं तागेले बापय विचारता, तूंवे आयकुवचांतु येनाशिलें आयकुवचे, जें मनन केलिल्यान सर्व कांय मनन जावचें, जें जाणिल्यार सर्व कांय जाणचें ज्ञान मेळयल्यांवे ? ताका प्रत्युत्तर म्हण्णुं सांगचांतु येता, *"यथा सोम्यैकेन मृत्पिण्डेन सर्वं मृन्मयं विज्ञातं स्यात् । वाचारंभणं विकारो नामधेयं मृत्तिकेत्येव सत्यम् । . . .एवं सोम्य स आदेशो भवति ।"* तोचि संदेश गुरु शिष्याक दिता *"अथ यदिस्मिन् ब्रह्मपुरे दहरं पुण्डरीकं वेश्म । दहरोऽस्मिन्नंतराकाशः । तस्मिन् यदंतः तदन्वेष्टव्यं तद्वावयिजिज्ञासितव्यं ।।"*

**(२५४). *सिद्धसंकल्पः* - जो सर्व सिद्धिंचो संकल्प जावनुं आसा, तो.**

सृष्टीचे सर्जन, पालन आनी संहार तागेले मूल संकल्पाक लागून परिणामित जाता. तागेले संकल्प स्वयंसिद्ध आशिल्यान तागेले कार्याक चलन दिवचाक विंगड शक्तिचि आवश्यकता ना.

**(२५५). *सिद्धिदः* - जो साधकांक सिद्धि प्रदान करता, तो.**

सिद्धि प्राप्त करचें म्हळ्यार असामान्य शक्ति मेळोवचि न्हंय. सिद्धि म्हळ्यार भगवंताले ज्ञानसाधनेचे मार्गावर दिसून येवचे पथदर्शन फलक. देकून ते अंतिम लक्ष्य नासताना अंतरिम आश्वासन. सिद्धि प्राप्त जालिल्यान मोक्ष प्राप्त जायना. परमात्मालें अपरोक्षज्ञान मेळिल्यानचि मोक्ष संभवता.

**(२५६). सिद्धिसाधनः - जो सिद्धि प्राप्त करनुं दिवचें साधन जावनुं आसा, तो.**

जे तरेन सिद्धीचें लक्ष्य आनी सिद्धी दिवचो परमात्मा आसा ते तरेन तो साधनबी आसा. जे तरेन चतुर्मुख ब्रह्माक पयलें प्रथम यज्ञ करतानां यज्ञांतु हवि दिवचे स्वातीर पुरुषोत्तमाशिवाय विंगड कसलेंयी साधन मेळें ना तेचि तरेन सिद्धि प्राप्त जावचे स्वातीर मनुष्याक परमात्माचि साधन सरूपान प्राप्त आसा.

*वृषाही वृषभो विष्णुर्वृषपर्वा वृषोदरः ।*
*वर्धनो वर्धमानश्च विविक्तः श्रुतिसागरः ।। २८ ।।*

**(२५७). *वृषाही* - जो धर्मरूपी दिवस उदय करता, तो.**

*"वृषः धर्मः पुण्यम् तदेवाहः"* - धर्म आनी भगवंताले शक्तीचो उदय, म्हण्णुं श्री शंकराचार्य वृषाही शब्दाचो अर्थ सांगताचि. परमात्मालें सूक्ष्म शक्तिक लागून विश्वाचें ऋतुचक्र आनी यज्ञ अविरत चलत आसता.

**वृष** शब्दाचो अर्थ वर्षण किंवा सिंचन करचें म्हण्णुं आशिल्यान मेघाचि जलधारा जे तरेन भौतिक जल हाडता ते तरेन अध्यात्मिक अनुभवास्वातीर परमात्मा उदात्त नवचैतन्य जीवांतु वर्षण करता. *"क्लेशकर्मादि निःशेषेणोन्मूलकं धर्म मेहति वर्षतीति धर्ममेघः ।"* म्हण्णुं योगशास्त्र सांगता.

(२५८). *वृषभः* - **जो साक्षात् धर्मपुरुष आसा, तो.**

धर्म धारण करचाक शक्ति आनी बल जरूर आशिल्यान धर्मपुरुषाचि उपमा चार पायाचे वृषभाक - बैलाक दिल्ली आसा. बैलाचे चार पाय म्हळ्यार ज्ञान, भक्ति, कर्म आनी योग. मोक्षाचि साधना पुरुषार्थाचे अर्थ आनी हांचि पूर्तता धर्मांचे पातळ्यीवयल्यान जाता. श्री कृष्ण अर्जुनाक *'वृषपर्भः'* म्हण्णुं संबोधन करता. वेदसूक्तांतु इन्द्राक अनेक संदर्भांरि *'वृषभ'* हें नांव दिल्लिलें आसा.

(२५९). *विष्णुः* - **जो सर्व विश्व व्यापून आशिलो परमात्मा आसा, तो.**

सृष्टी निर्माण जावचे पयले *'इदमग्रे'* आनी *'अहं ब्रह्मास्मि'* म्हण्णुं आपण्यालें स्वरूप उद्घोष करचे तत्वाक सृष्टी निर्माण जाले नंतर *'तत्'* म्हण्णुं संबोधन करचांतु येता. जगांतले सर्व शब्द ते तत्वाचे आविर्भूत संकेत आशिल्यान वास्तविक सर्व शब्द ते तत्वाचे उल्लेख करताचि. *'अहं - अहेयं'* (कोणांपासूनयी त्याज्य ना जावचें), *'ब्रह्म'* - परिपूर्ण, *'अस्मि'* - सर्वकाल आसचें, हे तीन विशिष्ट गुणांनि परिपूर्ण आशिल्यान तें तत्व *'ब्रह्म'* म्हण्णुं जाणचांतु येता. *"ब्रह्म वा इदमग्र आसीत् । तदात्मानमेवावेदहं ब्रह्मास्मीति । . . ."* *'तद्देदं तर्ह्यव्याकृतमासीत्'* - तेन्नां तें विकारशून्य आनी प्रवाहस्वरूपांतु अशिल्यान ताका *'नारायण'* नांव पडलें. जेन्नां विकारशून्य ब्रह्मतत्व नाम-रूपांतु व्यक्त जालें, नख-शिखांत प्रवेश करूनु सर्व अवकाश व्यापें तेन्नां ते तत्वाक *'विष्णु'* म्हणचांतु आयलें. श्री मध्वाचार्य बृहदारण्यकोपनिषद्भाष्यांतु स्पष्ट करतांचि *"स स्रष्टा चैव संहर्ता नियंता रक्षित हरिः । तेन व्याप्तमिदं सर्वमैतदात्म्यमतो विदुः । स आत्मा पूर्णगुणतः स सूक्ष्मः सर्वगः सदा । सर्वोत्तमत्वात् सत्यं . . . ॥"*

देकून वृषभ हें संज्ञेसयत हांगा परत विष्णु हें नांव दिवचांतु विशेष महत्व आसा. विष्णु आपण्याले व्यापक शक्तिक लागून धर्मावयर आपण्याले किरणांचे सिंचन करता.

(२६०). *वृषपर्वा* - **जो धर्माचें प्रगतींतु सधृढ पायरी जावनुं आसा, तो.**

श्री विष्णु न केवल साधनेचें लक्ष्य तर धर्माचे विकासाचे पर्वांतलि पायरीबी जावनुं आसा. जेन्नां जेन्नां मनुष्याले मनांतु श्रेष्ठ विचारांचो उदय जाता तेन्नां समजका कीं तागेले अंतःकरणांतु भगवंताले तेज किरणांचे सिंचन जायत आसा. देकून विष्णुक धर्माचो सधृढ आधार स्तंभ म्हणचांतु येता. तो आपण्याले तीन पादक्रमान धर्माचे संगोपन करता - *"त्रीणि पदा वि चक्रमे विष्णुर्गोपा अदाभ्यः । अतो धर्माणि धारयन् ॥"*.

(२६१). *वृषोदरः* - **जो धर्माचे मूल उगम स्थान जावनुं आसा, तो.**

*"धर्मो विश्वस्य जगतः प्रतिष्ठा ।"* आनी धर्माचे मूल साक्षात् हरि जावनुं आसा. *"धर्ममूलं हि भगवान्सर्वदेवमयो हरिः । स्मृतं च तद्विदां राजन्येन चात्मा प्रसीदति ॥"*. देकून गीतेंतु श्रीकृष्ण अनुमोदन करता - *"अध्येष्यते च य इमं धर्म्यं संवादमावयोः । ज्ञानयज्ञेन तेनाहमिष्टः स्यामिति ते मतिः ॥"* (१८.७०). साहजिक संसारांतु सर्वांक धर्माचे परिपालन करा म्हळ्यारियी कित्याक जन करनांचि म्हण्णुं श्री वेदव्यासांक आश्चर्य जाता - *"ऊर्ध्वबाहुर्विरौम्येष न च कश्चिच्छृणोति मे । धर्मादर्थश्च कामश्च स किमर्थं न सेव्यते ॥"*

(२६२). *वर्धनः* - **जो धर्माचि वृद्धि करता, तो.**

जेन्नां जेन्नां धर्मावयर अज्ञानाचि अवकळा येता तेन्नां तेन्नां धर्माचो पुनर्स्थापन आनी अभिवृद्धी करचे खातीर भगवंत हे धर्तरेवयर जन्म घेता.

(२६३). *वर्धमानः* - जो धर्माचि वृद्धि जालिल्यान स्वतः श्रेष्ठ आसा, तो.

धर्माचो विकास म्हळ्यार प्रकाशाचो, ज्ञानाचो विस्तार. ते प्रकाशांतूचि दैवी शक्तिचे प्रभाव सर्व दिक पसरता. देकून वेद वचन आनी ताका लागून सत्याचरण परमात्माक अत्यंत प्रिय आसा. *"श्रुतिः स्मृतिः सदाचारः स्व च प्रियमात्मनः । सम्यक्संकल्पजः कामो धर्ममूलमिदं स्मृतम् ॥"*

(२६४). *विविक्तः* - जो एकांत सेवन करता, तो.

सर्व महान् कार्य मनुष्य एकांतांतु अशिले तेन्नांचि अंकुर पावताचि. सृष्टी निर्माण करताना भगव श्रीमन्नारायण एकलोचि अनंत सागरांतु विराजमान आशिलो. देकून श्री कृष्ण सुद्धां अर्जुनाक एकांताचें अनुमोदन कर - *"योगी युञ्जीत सततमात्मानं रहसि स्तिथः । एकाकी यतचित्तात्मा निराशीरपरिग्रहः ॥"* जेन्नां मन अस्थिर आसता ते संकल्पप्रभवाम्कामांस्त्यक्त्वा सर्वानशेषतः । मनसैवेन्द्रियग्रामं विनियम्य समन्ततः ॥ शनैः शनैरुपरमेद् बुद्धया धृतिगृहीत । आत्मसंस्थं मनं कृत्वा न किञ्चिदपि चिन्तयेत् ॥ यतो यतो निश्चरति मनश्चञ्चलमस्थिरम् । ततस्ततो नियम्यैतदात्मन वशं नयेत् ॥ प्रशान्तमनसं ह्येनं योगिनं सुखमुत्तमम् । उपैति शान्तरजसं ब्रह्मभूतमकल्मषम् ॥ म्हण्णुं गीतेंतु (६.२४-२ सांगल्यां. *"यदा पंचावतिष्ठंते ज्ञानानि मनसा सह । बुद्धिश्च न विचेष्टति तमाहुः परमां गतिं ॥"* (कटोपनिषद). ताकां योग किंवा अपयोक्षज्ञान म्हणताचि.

(२६५). *श्रुतिसागरः* - जो वेदाचो भाण्डार आसा, तो.

वेदोपनिषद जें ज्ञानसागराचे रूपान संसाराक प्राप्त जाल्याचि. ते परम व्योमाकाशांतल्यान प्रगट ज्ञानभाण्डार आसा. *"ऋचो अक्षरे परमे व्योमन् यस्मिन् देवा अधि विश्वं निषेदुः । यस्तन्न वेद किं ऋचा करिष्यति य इ तद् विदुस् त इमे समासते ॥"* वेदांतु परमात्मालो निवास आसता. जो कोण तें जाणता ताकाचि परमात्मालें ज्ञान प्र जाता. *"वेदो नारायणः साक्षात्स्वयंभूरिति शुश्रुम ।"* - वेद साक्षात् श्रीमन्नारायण म्हण्णुं आमि पुरातन कालाप आयकलिलें आसा.

*सुभुजो दुर्धरो वाग्मी महेन्द्रो वसुदो वसुः ।*
*नैकरूपो बृहद्रूपः शिपिविष्टः प्रकाशनः ॥ २९ ॥*

(२६६). *सुभुजः* - कोणांलि भुजं सुंदर आसाचि, तो.

भगवंताले असामान्य शक्तिचें प्रतीक 'सहस्त्रबाहू' म्हण्णुं जे पुरुषसूक्तांतु नमूद जाले तेंचि अर्जुनान *"अनेकबाहूदरवक्त्रनेत्रं पश्यमि त्वा सर्वतोऽनंतरूपं ।"*. पुण असले दर्शन सर्व साधारण मनुष्याक लाभना. अर्जुना असामान्य धनुर्धराक सुद्धां तें पोळोवचाक साध्य जायना.

(२६७). *दुर्धरः* - कोणें धारण केलिलें रूप पोळोवचाक कठीण जाता, तो.

श्री कृष्णालें विश्वरूप पोळोवनुं मन उद्विग्न जालिलो अर्जुन श्री कृष्णाक सौम्य रूप धारण करचाक प्रार्थ करता. *"ततः स विस्मयाविष्टो हृष्टरोमा धनंजयः ।"*. *"भयेन च प्रव्यतिथं ।"*. वास्तविक असलें रूप पोळोवनुं लोकवी भियेताचि - *"दृष्ट्वाऽद्भुतं रूपमुग्रं तवेदं लोकत्रयं प्रव्यथितं . .।"*

पुण हें रूप पोळोवनुं प्रह्लादा सारखे भक्त, कोणें आपण्यालें सर्वस्व - तनमनधन - शरणागत म्हण्णुन अर्प केल्यां, भीनांचि. श्री मध्वाचार्यांनि गीताभाष्यांतु सांगिल्ले तरेन *"न तु नियमतो भयप्रदं तत्स्वरूपं । तादृश्य तदभावा केषांचित् तथा दर्शयति भगवान् । प्रियन्ति केचित्तस्य रूपस्य दृष्टौ बिभेति कश्चिदभ्यसं सर्वतृप्ति ।"* - भगवंता

विश्वरूप सर्वांक भयदायक आसना. नारदाक भय दिसलें ना. प्रह्लादाक नारसिंहाले रूप पोळोवनुं भय दिसलें ना. थोडे भक्तांक भयानक रूप पोळोवनुं सुद्धां आनंद जाता.

(२६८). *वाग्मी* - **जो वाणीचो स्वामी आसा, तो.**

सर्व साधारण मनुष्य वाणीचो आधीन आसता. तोंडाक आयलें तें उलयता म्हणताचि. पुण श्रेष्ठ पुरुषालि वाणी तागेले बुद्धी आनी विवेकाचे आधीन आसता. वाणीचो अविर्भाव प्राण आनी रसाचे मुखांतर जाता. देकून जो मनुष्य नाम-जपाचे मुखांतर आपण्याले वाणीचो सदुपयोग करता तेन्नां तागेले प्राणाचें स्पन्दन शब्दांतु अविर्भाव जाता. अंतःकरणांतु आशिली दैवी शक्ति जागी जावनुं भक्तिरसाचो प्रवाह सुरु जाता. जीव-परमात्मामदलें विभक्त जीवन परमात्माले सान्निध्यान परमानंद अनुभवता.

(२६९). *महेन्द्रः* - **जो इन्द्रापेक्षां महान् आसा, तो.**

इन्द्र हो देवांलो अधिपति आनी इन्द्राले दर एक संघर्षांतु परमात्मा मदत करत आशिल्यान इन्द्रालो विजय तो वास्तविक श्री विष्णुलो विजय. देकून तो महान् इन्द्र जावनुं आासा.

(२७०). *वसुदः* - **जो सात्विक गुणांचो प्रतीक आसा, तो.**

भागवत पुराणांतु वसुदेव शब्दाचि व्याख्या *'सत्वं विशुद्धं वसुदेवशब्दितम्'* म्हण्णुं केलिली आसून परमात्माले निरंतर चिंतनेन मनुष्यालें मन आनी अंतःकरण स्वंय शुद्ध आनी पवित्र जाता आनी थंय भगवंताले अधिष्ठान जाता.

(२७१). *वसुः* - **जो सर्व दिव्य प्रकाशाचे समूह आसा, तो.**

वसु आठ आसाचि - आप, धृव, सोम, धर, अनिल (वायु), अनल (अग्नि), प्रत्युश आनी प्रभास. हे आठ वसु प्रकाशाचे समूह आसून ते तेज वितरण करताचि. *'वसूनां पावकश्चास्मि ।'* आनी असले वसूंतु विष्णु पावक. पावक हें अनल किंवा अग्निलें नांव, जी अग्नि पापक्षालन करनुं थंय दैवी शक्तीक येवकार दिता. पापक्षालन जालिल्यान अंतःकरणांतु प्रकाश पसरता.

(२७२). *नैकरूपः* - **जो अनेक रूप धारण करता, तो.**

वास्तविक परमात्मालें एकचि रूप आसता. पुण तागेले एकमात्र ऐश्वर्यशक्तिचें रूप विशेष कारणांक लागून अनेक रूपं धारण करता. *"एकं सन्तं बहुधा कल्पयन्ति ।"* *"एकं सद्विप्रा बहुधा वदन्त्यग्निं यमं मातरिश्वानमाहुः ।"* हे वेदांतले प्रमाण प्रसिद्ध आसा. श्री मध्वाचार्यांनि बृहदारण्यकोपनिषद्भाष्यातु सांगल्यां - *"अवतारा महाविष्णोः सर्वे पूर्णाः प्रकीर्तिताः । पूर्णं च तत् परं रूपं पूर्णात् पुर्णाः समुद्गताः ॥"*

(२७३). *बृहद्रूपः* - **कोणांले रूप विशाल आसा, तो.**

परमात्मालें रूप विशाल आशिल्यान ताका विष्णु म्हणचांतु येता. अर्जुनाक विशाल असलें विश्वरूप दाखोवचे खातीर श्री कृष्णाक दिव्य दृष्टी दिवचि पडलि. कारण परमात्मालें रूप *"शततोऽथ सहस्रशः नानाविधानि दिव्यानि नानावर्णाकृतीनि* च" आशिलें. आनी ते पळ्यलेकीं अर्जुनाक श्री कृष्णाले उत्रांचो अर्थ समजलो

*"अनेकवक्त्रनयनमनेकाद्भुतदर्शनं । अनेकदिव्याभरणं दिव्यानेकोद्यतायुधं।। दिव्यमाल्यांबरधरं दिव्यगंधानुलेपनं सर्वाश्चर्यमयं देवमनंतं विश्वतोमुखं ।।"* (गीता. ११.१०-११).

**(२७४). *शिपिविष्टः* - कोण जीवांतु आत्मरूपान आसा किंवा जो किरणांनि समावेश आसा, तो.**

*"यज्ञो वै विष्णुः पशवः शिपिर्यज्ञ एव पशुषु प्रतिष्ठति ।"* (तैत्तिरीय संहिता) - यज्ञ हें विष्णु स्वरूप आसा. आनी तांतूतले पशुंतु आत्म रूपान तो आसता.

सायणाचार्यांनि *शिपिविष्ट* शब्दाचो अर्थ *'शिपयः - रश्मयः, तैः आविष्टः'* - किरणांनि समाविष्ट जाल्लिो म्हण्णुं केल्लिो आसा. वास्तविक विष्णु आदित्य मण्डलांतलो आसून तेज, ज्योतिस्वरूप आनी प्रकाश तागेलो स्वभाव जावनुं आसा.

**(२७५). *प्रकाशनः* - जो सर्वांलो प्रकाशक आसता, तो.**

*"यथा प्रकाशयत्येकं कृत्स्नं लोकमिमं रविः । क्षेत्रं क्षेत्री तथा कृत्स्नं प्रकाशयति भारत ।।"* (गीता.१३.३३) जे तरेन एक सूर्य सर्व जग प्रकाशिता ते तरेन श्री विष्णु सर्व विश्व आपण्याले तेजान प्रकाशिता.

*ओजस्तेजोद्युतिधरः प्रकाशात्मा प्रतापनः ।*
*ऋद्धः स्पष्टाक्षरो मन्त्रश्चन्द्रांशुर्भास्करद्युतिः ।। ३० ।।*

**(२७६). *ओजस्तेजोद्युतिधरः* - जो ओज, तेज आनी प्रभांचे संगम जावनुं आसा, तो.**

जेन्नां स्थूल शरीरांतले मल काडनुं परमात्मा तें शुद्ध करता तेन्नां तें शरीर ओज आनी तेजान झळ्ळता. आनी ते शरीरांतलि जडता, पार्थिवता, आनी आर्द्रता नाश जाल्लियान तें शरीर परमात्मालें तेज आनी ओज स्वीकारचाक अधिकारी जाता.

ओजस् तेजसांतु आनी तेजस् - द्युतींतु, प्रभेंतु विलीन जाल्लियान साधकाक नामजपाचें महत्व आनी श्रेय समझता. 'द्युतिधरः' म्हळ्यार जो प्रभा धारण करता, तो. देकून श्री कृष्ण आपण्याले विभूतिंचे वर्णन गीतेंतु करताना *'तेजस्तेजस्विनामहम् ।' 'बलं बलवतां चाहम् ।'* म्हण्णुं करता.

**(२७७). *प्रकाशात्मा* - कोणालो आत्मा प्रकाशस्वरूप आसा, तो.**

हीं सर्व नांवं परमात्माले प्रकाशाचो प्रभाव स्पष्टायताचि. भगवद्स्वरूपाचो साक्षात्कार जाल्लिो ऋषी सहृदाश्चर्यान उद्गार काडता - *"वेदाहम् एतं पुरुषं महान्तम् अदित्यवर्णं तमसः परस्तात् । तम् एव विदित्याति मृत्युम् एति नान्यः पन्था विद्यतेऽयनाय ।।"*. तो *'ज्योतिषां ज्योति'* आसा. तो *'सर्वस्य धातारम्' 'अचिन्त्यरूपम्'* आसा. *"हिरण्मयेन पात्रेण सत्यस्यापिहितं मुखम् । तत् त्वं पूषन् अपावृणु सत्यधर्माय दृष्टये ।।"* - तागेलें मुख भांगराचे आवरणान झांकिलें आसा. देकून ऋषी तें पात्र तागेले मुखावयल्यान दूर कर म्हण्णुं प्रार्थना करता. *"तद्विष्णोः परमं पदं सदा पश्यन्ति सूरयः ।"* - तेन्नांचि तागेलें श्रेष्ठ रूप ज्ञानी जनांक दिसता.

**(२७८). *प्रतापनः* - जो प्रतापशाली आसा, तो.**

जे मनुष्यालें जीवन प्रकाशान परिपूर्ण जाता ते मनुष्यालें जीवन प्रताप करचे स्वातीर उत्सुक आसता. *"प्र तद्विष्णुः स्तवते वीर्येण मृगो न भीमः कुचरो गिरिष्ठाः । यस्योरुषु त्रिषु विक्रमणेष्वाधिक्षियन्ति भुवनानि विश्वा ।।"* (ऋ.१.१५४.२). तो स्वतःचे वीर्यकर्तृत्वान, सिंहातरेन प्रतापशाली शक्तिन तीन लोकांचे परिक्रमण करता. देकून तागेले पराक्रमाचे स्तवन करचाक ऋषी सदा उद्युक्त आसताचि. - *"विष्णोर्नु कं वीर्याणि प्र वोचम् ।"*

(२७९). **ऋद्धः - जो संमृद्ध आनी ऐश्वर्य संपन्न आसा, तो.**

हाजे पयलेचे चार-पांच नांवं मुकुट तरेन आसल्यार हें नांव ते मुकुटावयलि मणी आसा. कोणालें अस्तित्व प्रकाशाचें समूह आसता तोचि *'श्रीमान्'* *'भगवान्'* वगैरे नांवांनि सुशोभित जाता. समृद्धता विष्णुले वैभवाचे साक्षात्कार दिताचि. विष्णुं पुराणांतु भगवान शब्दाचि व्याख्या *"ऐश्वर्यस्य समग्रस्य धर्मस्य यशसः श्रियः । ज्ञानवैराग्ययोश्चेति षण्णां भग इतीरणा ॥"* म्हण्णुं केलिली आसा. भग म्हळ्यार ऐश्वर्य, धर्म धारण करनुं प्रजेचें रक्षण करचें, जय, ज्ञान, वैराग्य इत्यादि. देकून ऋग्वेदांतु प्रार्थना आसा *"भग एव भगवाँ अस्तु देवास्तेन वयं भगवन्तः स्याम ।"* (७.४१.५).

(२८०). ***स्पष्टाक्षरः*** **- जो अनुभूतींतु साक्षात्कार जाता, तो.**

भगवान *'अक्षर'* - जो केन्नांयी नाश जायना, तो. यमधर्मराय नचिकेताक हे अक्षरब्रह्मा विशय ज्ञान दिताना सांगता - ***"सर्वे वेदा यत्पदमामनन्ति तपांसि सर्वाणि च यद्वयन्ति । यदिच्छन्तो ब्रह्मचर्यं चरन्ति तत्ते पदं संग्रहेण ब्रवीमि ॥ ॐ इत्येतम् ॥"*** (कठोपनिषद). असले अविनाशी अक्षरब्रह्माचो साक्षात्कार स्वतःचे तपप्रभावान आनी गुरुदेवाले अनुग्रहान अपरोक्षानुभूतीन जाता.

(२८१). ***मन्त्रः*** **- कोणालें विषय मनन करचांतु येता, तो.**

जें मनन केलिल्यान मन्त्र रूपान प्रगट जाता तेंचि सत्य रूपान संसार पार करता. ***"मननात् त्रायते इति मंत्रः ।"*** जेन्नां मनुष्य सतत मनन करता तेन्नां तो स्वतः मन्त्र केलिले आराध्य देवते बरोबर सादृश्य जाता. देकून ***"आत्मा वा अरे द्रष्टव्यः श्रोतव्यो मन्तव्यो निधिध्यासितव्यः । मैत्रेयी आत्मनो वा अरे दर्शनेन श्रवणेन मत्या विज्ञानानेदं सर्वं विदितम् ।"*** (बृहदारण्यकोपनिषद). आत्मा म्हळ्यार श्रीमन्नारायणाले महत्कार्याचे सतत श्रवण, तागेले सतत चिंतन आनी तागेले सतत ध्यान धरिल्यान जें सर्व समजचें आसताछ तें सर्व समजचांतु येता. श्री मध्वाचार्यांनि सांगताचि - ***"सर्वकारणत्वाच्च सर्वं प्रधान्यादिदं सर्वं विदितम् ।".*** सर्वांक श्री विष्णु कारणीभूत आनी सर्वांपेक्षा प्रधान पुरुष आशिल्यान तागेले ज्ञानानचि सर्व कांय ज्ञात जाता.

(२८२). ***चन्द्रांशुः*** **- जो चन्द्रातरेन शीतल आसा, तो.**
(२८३). ***भास्करद्युतिः*** **- जो सूर्यातरेन तेजस्वी आसा, तो.**

हे तरेचे परस्पर विरोधी गुणधर्मांचो निर्देश दीवनुं विष्णुलें अ-चिन्त्य रूपाचो उल्लेख करचांतु आयला. ***"द्वे वाव ब्रह्मणो रूपे मूर्तं चैवामूर्तं च । मर्त्यं चामृतं च । स्थितं च यच्च । सच्च त्यं च ॥"*** (बृहदारण्यकोपनिषद). हे मूर्त-अमूर्त जगांतु श्री विष्णुले सत्य-स्वरूप दिसत नासताना तागेलें प्रतिमात्मक रूप मात्र दिसता. भगवंतालें रूप सर्वां पेक्षां उत्तम आशिल्यान तागेले सादृश्य कोणियी नांचि. देकून जें दिसून येता 'हें तें न्हंय, हें तें न्हंय' म्हण्णुं सांगचें पडता. *'नेति नेति'* हे उपनिषद वाक्याचें विवरण *'न इति न इति'* म्हण्णुं करत नासताना *'इति न इति न'* म्हण्णुं करचें जास्त योग्य आसा म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य म्हणताचि. भगवान *इति* (मूर्त) *न*, *इति* (अमूर्त) *न* - मूर्त न्हंय, अमूर्त न्हंय. तो तांचे पेक्षां श्रेष्ठ, विलक्षण आनी अद्वितीय आसा.

*अमृतांशूद्भवो भानुः शशबिन्दुः सुरेश्वरः ।*
*औषधं जगतः सेतुः सत्यधर्मपराक्रमः ॥ ३१ ॥*

(२८४). *अमृतांशूद्भवः* - जो अमृत किरणांचो उगमस्थान आसा, तो.

*"ध्यायेत्सदा सवितृमण्डलमध्यवर्ति नारायणः सरसिजासनसंनिविष्टः । केयूरवान् मकरकुंडलवान् किरीटी हारी हिरण्मयवपुर्धृतशंखचक्रः ॥"* - हे तरेन विष्णुलें स्तवन करचांतु येता. विष्णु तेज, प्रकाश, किरणां तरेन नासताना तो

तेजाचे, प्रकाशाचे आनी किरणांचे उगम-स्थान आसा. तेज, प्रकाश किंवा किरणं एकत्रित जावचांतु तागेलें अस्तित्व अवलंबून ना. ताजे उल्टं तेज, प्रकाश आनी किरणांचे अस्तित्व तागेले वयर अवलंबून आसता. तो स्वतंत्र आशिल्यान ताका तागेलें अस्तित्व सिद्ध करचाक विंगड कोणांलेयी आधाराचि अवश्यकता ना. *"प्रभाऽस्मि शशिसूर्ययोः ।"* (गीता.७.८)

**(२८५). *भानुः* - जो सूर्यातरेन प्रकाशमय आसा, तो.**

*'भाः'* म्हळ्यार प्रकाश आनी *'तमेव भान्तम्'* - तो स्वतः प्रकाशमय आशिल्यान तो इतरांकवी प्रकाशित करता.

**(२८६). *शशबिन्दुः* - चन्द्र कोणांलो अंश आसा, तो.**

हांगा बिन्दु म्हळ्यार लक्षण. ताका लागून शशबिन्दु शांत मनाचो, आत्म तृप्तीचें लक्षण दाखयता. *"योऽन्तःसुखोऽन्तरारामस्तयान्तर्ज्योतिरेव यः । स योगी ब्रह्मनिर्वाणं ब्रह्मभूतोऽधिगच्छति ॥ . . . सुहृदं सर्वभूतानां ज्ञात्वा मां शान्तिमृच्छति ॥"* (गीता.५.२४ आनी २९). देकून शान्तस्वभावाचे लक्षणान पूर्ण आशिल्यान तो शशबिन्दु आसा.

**(२८७). *सुरेश्वरः* - जो दिव्य देवतेंलो स्वामी आसा, तो.**

विश्वांतु जें दिव्य आसता ताजें उगम प्रकाशमय परमात्मांतु आसता. देकून तो *'सर्वस्य धातारम्' 'अचिन्त्यरूपम्' 'आदित्यवर्णम्'* आसा, देवांलो स्वामी जावनुं आसा.

**(२८८). *औषधम्* - जो सर्व प्रकृतींतु साररूपान आसता, तो.**

छांदोग्योपनिषद्भाष्यांतु श्री मध्वाचार्य मधुविद्येविषय उलयताना सांगताचि - *"य अदित्यगतो विष्णुः स एव मधुनामकः । मदधिर्मध्विति प्रोक्तो मदः सुखमिहोच्यते । अ इत्यधिक्यमुद्दिष्टं मद् ज्ञानततिरुच्यते । तद्वत्ता ततिरुद्दिष्टा तेनानुभव ईरितः । अधिकोऽनुभवो यस्य सर्वस्मादीप्सितादपि । सोऽयं मद इति प्रोक्तः सर्वं हि सुखसाधनम् ॥"* - आदित्यांतु आशिले तागेले नांव मधु आसा. मधु म्हळ्यार मद आनी मद तें सुख जावनुं आसा. मद शब्दाचे अखेरीक आशिल्लें *अ* सुखाचे अधिक्य दाखयता. *म* म्हळ्यार ज्ञानि आनी *'त् तति ज्ञानतति'* म्हळ्यार ज्ञानविषय म्हण्णुं अर्थ. देकून परमात्मा सुख म्हळ्यार सर्व सुखांचे सार जावनुं आसा.

**(२८९). *जगतः सेतुः* - जो सर्व संसाराचो सेतु जावनुं आसा, तो.**

महाभारताचे दृष्टांत दीवनुं सांगचांतु येता, *"भीष्मद्रोणतटा जयद्रथजला गांधारनीलोत्पला । शल्यग्राहवती कृपेण वहनी कर्णेन वेलाकुला ॥ अश्वत्थामविकर्णघोरमकरा दुर्योधनावर्तिनी । सोतीर्णा खलु पांडवै रणनदी कैवर्तकः केशवः ॥"* - भीष्म आनी द्रोण हे नदी तट, जयद्रथ हें उदाक, गंधर्व हे नीलकमल, शल्य सिंसरी, अश्वत्थाम आनी विकर्ण हे घोर मासळ्यो, दुर्योधन हो उदकांतलो भोंवरो - हे सर्व संकटांतल्यान पाण्डव श्री कृष्णाले मदतीन पार सुटले. "एष सेतुर्विधरण एषां लोकानामसंभेदाय ।" (बृहदारण्यकोपनिषद).

संसार सागरांतु जेन्नां मनुष्य असाहाय्य जावनुं भगवंताक शरण वता तेन्नां ता सेतुरूपान ताका पेलतडेन पावयता.

**(२९०). *सत्यधर्मपराक्रमः* - कोणांले पराक्रम सत्य आनी धर्मांचे पातळीवयर आसताचि, तो.**

सत्य आनी धर्म हे परमात्मान विश्व नियंत्रणेखातीर घालनुं दिलिले आधारस्तंभ आसाचि. परमात्मा सत्याचो प्रतीक आसून धर्म तागेले अधिष्ठान आसा. देकून वाल्मिकी ऋषीन रामायणांतु भगवंतालें वर्णन *"धर्मज्ञः सत्यसंधश्च प्रजानां च हिते रतः । यशस्वी ज्ञानसंपन्नः शुचिर्वश्य समाधिमान् ॥"* म्हण्णुं केलिलें आसा.

***भूतभव्यभवन्नाथः पवनः पावनोऽनलः ।***
***कामहा कामकृत् कान्तः कामः कामप्रदः प्रभुः ॥ ३२ ॥***

(२९१). **भूतभव्यभवन्नाथः - जें जालें, जें जायत आसा आनी जें जावचें आसा - जो ते सर्वांचो स्वामी आसा, तो.**

"पुरुष एवेदं सर्वं यद् भूतं यच्च भव्यम् ।" (ऋ.१०.९०.२). काल शब्दाचि व्याख्या श्री मध्वाचार्यांनि "काल शब्दः जगद्बंधन-छेदन-ज्ञानादिसर्वभगवद्धर्मवाची ।" काल शब्द जग जोडता, जग वेगळे दवरता आनी जगाचें ज्ञान दिता. वास्तविक भगवंताले हें कार्य जावनुं आशिल्यान तोचि काळ स्थान वावुरता. भूत आनी भविष्य कालाक वर्तमान कालाबरोबर संबंध वेगळे दवरचें आनी जोडचें हें भगवंताली अमोघ शक्तीक लागून आसता. "वेदाहं समतीतानि वर्तमानानि चार्जुन । भविष्याणि च भूतानि मां तु वेद न कश्चन ॥" (गीता.७.२६).

(२९२). पवनः - जो संसार पवित्र किंवा गतिशील करता, तो.

'पवनः पवतास्मि' (गीता.१०.३१). पवन म्हळ्यार वारा आनी गति तागेलो सभाव धर्म. **"पाल्कैर्वननीयत्वात् पवनो शोधनान्मनः"** सर्व वस्तूंलें मालिन्य जाळ्नुं ती वस्तु शुद्ध **करत आशिल्यान ताका 'पावकः' म्हण्णुं** उल्लेख करताचि.

(२९३). पावनः - **जो पवित्र आसून भक्तांक पवित्र करता, तो.**

योग साधर्नेतु प्राण ऊर्ध्वदिकान उत्क्रमण जायत जायत शरीरांतले मालिन्य आपण्याले तेजान भस्म करता. ऋग्वेदांतले पवमान सूक्तांतु (९.६७.२३) अग्नीक केलिली प्रार्थना प्राणाकवी यथायोग्य जुळ्ता. "यत ते पवित्रमचिष्यग्ने विततमंतरा ब्रह्म तेन पुनीहि नः ।" - हे अग्निदेवा ! तुगेल्यांतु जें पवित्र करचें तत्व आसा ताजे मुखांतर आमकां पावन कर. विष्णु सहस्रनामांतु भगवंताक *'पवित्राणां पवित्रं यो मङ्गलानां च मङ्गलं'* म्हण्णुं संबोधन केलिलें आसा.

(२९४). अनलः - **कोणाक अंत ना, तो.**

"अलं पर्याप्तमस्य न विद्यत इति" - कोणांक करलेंयी सीमित ना, तो.

(२९५). कामहा - जो मनुष्याले मनांतु अशिलो काम जाळ्नुं नाश करता, तो.

अर्जुनाले "अथ केन प्रयुक्तोऽयं पापं चरति पुरुषः अनिच्छन्नपि वार्ष्णेय बलादिव नियोजितः ।" हे प्रश्नयाक भगवान उत्तर दिता "काम एष क्रोध एष रजोगुणसमुद्भवः । महाशनो महापाप्मा विद्धयेनमिह वैरिणम् ॥" असले अहितकारी काम मनुष्याले साधर्नेतु व्यत्यय हाडत आशिल्यान तागेले मनांतल्यान तें समूळ नाष्ट करचें तागेलें अभ्युदयाखातीर मदत जाता. *"यस्य सर्वे समारम्भाः कामसङ्कल्पवर्जिताः । ज्ञानाग्निदग्धकर्माणं तमाहुः पण्डितं बुधाः ॥"* ... *"यदा विनियतं चित्तमात्मन्येवावतिष्ठते । निःस्पृहः सर्वकामेभ्यो युक्त इत्युच्यते तदा ॥"* म्हण्णुं गीर्तेतु संगल्या..

पुण काम हो संसारांतु सृजनशीलवी आसता. "धर्माविरुद्धो भूतेषु कामोऽस्मि भरतर्षभ ।" धर्म नियमांक पूरक आशिलें काम्यकर्म आपूणचि आसा म्हण्णुं तो सांगता.

### (२९६). कामकृत् - जो कामभावनेक जन्म दिता, तो.

मनुष्याले मनांतले संकल्पांचो जन्मदाता भगवंतु आसा. "कामः प्रद्युम्नः तज्जनकत्वात्" म्हण्णुं श्री शंकराचे भाष्य करताचि. श्री कृष्णालो पूत प्रद्युम्न कामदेवालो अवतार म्हण्णुं मानिल्यान तागेले मुखांतर सत्कामकर्म प्रकट येताचि. मनुष्याले पुरुषार्थांतु कामभावनेक महत्व आसा. पुण जीवन उत्कर्श जावचें आसल्यार ही कामभावना नियमांवयर आधारित आसचाक जाय. परमात्मास्वातीर सर्व कांय प्रिय जाता म्हण्णुं श्री मध्वाचार्यांले मत आसा. "न *वा अरे पत्युः कामाय पतिः प्रियो भवति । आत्मनस्तु कामाय पतिः प्रियो भवति ॥ . . . न वा अरे सर्वस्य कामाय सर्वं प्रिय भवति । आत्मनस्तु कामाय सर्वं प्रिय भवति ॥*" काम भावनेक लागून मनुष्यालि प्रेरणाशक्तीक गति प्राप्त जाता. पुण ही कामभावना भगवद् विषय आसल्यारियी ती मोक्षास्वातीर उपयोजक जाता.

### (२९७). कान्तः - जो जगांतु सर्वांपेक्षां सुंदर आसून सर्व जगाक प्रिय आसा, तो.

"*स एव वासुदेवोऽसौ साक्षात् पुरुष उच्यते । स्त्रीप्रायम् इतरात् सर्वं जगद् ब्रह्मपुरुस्सरम् ॥*" - तो वासुदेव एकमात्र पुरुष आसून विंगड सर्व जग स्त्रीसमान आसाचि म्हणचांतु येता. पांचरात्रागम म्हण्णुं प्रख्यात आशिलें श्रीलक्ष्मी तंत्रांतु श्री विष्णु पत्नि लक्ष्मीदेवी सांगता "*येन सोऽहंस्मृतो भावः परमात्मा सनातनः । स वासुदेवो भगवान् क्षेत्रज्ञः परः मतः ॥ विष्णुर्नारायणो विश्वो विश्वरूप इतीर्यते । अहंतया समाक्रान्तं तस्य विश्वमिदं जगत् ॥*" (२.५-६) - जो अहं भाव आसता तोचि परम क्षेत्रज्ञ भगवान वासुदेव जावनुं आसा. तो विष्णु, विश्व, नारायण आनी विश्वरूप नांवांनि ओळखुचांतु येता. हे सर्व जगांतु तागेलि *अहं* तत्वान हांवु व्यापून आसा. "*आत्मा स सर्वभूतानामंभूतो हरिः स्मृतः अहंता सर्वभूतानामहस्मि सनातनी ॥*" (२.१३) - सर्व प्रणिजीवांतलो आत्मा श्री हरि आसल्यार हांवु सनातन अहंता जावनुं आसा. "*स्वधर्मोर्मिसमुल्लासो न भेदायाम्बुजम्बुधेरिव । प्रायो यदगुणकर्तव्ये वर्ते कृत्या या ह्यहम् ॥*" (२.५३) - सृष्टी निर्माण कार्यांतलो मेगेलो प्रादुर्भाव मेगेलेचि अद्वितीय अस्तित्वाचें दुसरें स्वरूप आसा. समुद्रांतले उदकाचे लहरी तरेन मेगेलें अस्तित्व आसा. प्रकृतिरूपान जगांतले सर्व चेतन आनी अचेतन जीवांक निर्माण करता. श्री विष्णु सर्वांलो कांत आसा.

### (२९८). कामः - जो अद्वितीय आनी परम आनंद दिता, तो.

विष्णुलो पूर्णावतार जावनुं आशिले कृष्ण नांवाचि व्याख्या "*कृषिर्भूवाचकः शब्दो णश्च निवृत्तिवाचकः तयोरैक्यं परं ब्रह्म कृष्ण इत्यभिधीयते ॥*" - कृ हें अस्तित्ववाचक आसून ण हें निवृत्तीवाचक आसा. ब्रह्मत्व हें समागम आशिल्यान कृष्ण शब्दाचो अर्थ परमानंद म्हण्णुं जाता. देकून श्री कृष्ण "*धर्माविरुद्धो भूतेषु कामोऽस्मि भरतर्षभ ।*" म्हण्णुं स्वतःचि ओळख करनुं दिता. परमात्मा *आप्तकामः* जावनुं आसा.

### (२९९). कामप्रदः - जो भक्तांली इच्छा सदा पूर्ण करता, तो.

भगवंत आपण्याले भक्तांली पार्थना आयकून तागेली धार्मिक काम, इच्छा आनी प्रवृत्ति परिपूर्ण करता. "*यत्पादपद्ममकरंदनिषेवणेन ब्रह्मादयः शरणदाश्नुते विभूतीः । चित्रं तवेहितमहोऽमितयोगमायालीलाविसृष्टभुवन विशारदस्य । सर्वात्मनः समदृशो विषमः स्वभावो भक्तप्रियो यदसि कल्पतरुस्वभावः ॥*" तुगेले पादकमलांचे नित्य ध्यान केलिल्यान ब्रह्मादि देव ऐश्वर्यवंत जाले. तूं हें विश्व स्वतःचे योगमायेन केवल एक लीला म्हण्णुं निर्माण करुन सर्वांलो आत्मांतु निवास करनुं, समद्रिश्टी, विवेकी आसून कल्पतरुचे सर्व गुणं प्रकाशिता. हे तरेन भागवत पुराणांतु तागेलें वर्णन कामप्रद कल्पतरु म्हण्णुं केलिलें आसा.

**(३००). प्रभुः - जो सर्वशक्तिमान स्वामी आसा, तो.**

विश्वांतले दर एक तत्व परमात्माले शक्तिन प्रभावित जाल्लिं आसा. *"मयाध्यक्षेण प्रकृतिः सूयते सचराचरम् ।"* (९.१०). *"गतिर्भर्ता प्रभुः साक्षी निवासः शरणं सुहृत् । प्रभवः प्रलयः स्थानं निधानं बीजमव्ययम् ॥"* (९.१८) *"अहं सर्वस्य प्रभवो मत्तः सर्वं प्रवर्तते ।"* (१०.८) *"न तदस्ति विना यत्स्यान्मया भूतं चराचरम् ।"* (१०.३९) *"ममैवांशो जीवलोके जीवभूतः सनातन ।"* (१५.७) *"गामाविश्य च भूतानि धारयाम्यहमोजसा । पृष्णामि चौषधीः सर्वाः सोमो भूत्वा रसात्मकः ॥"* (१५.१३) *"ईश्वरः सर्वभूतानां हृद्देशेऽर्जुन तिष्ठति । भ्रामयन् सर्वभूतानि यन्त्रारूढानि मायया ॥"* (१८.६१) - असले आनी विंगड वचनांनि गीर्तेतु श्री कृष्ण भगांतान आपण्यालें प्रभुत्वाचि जाण करनुं दिल्लिली आसा.

*युगादिकृत् युगावर्तो नैकमायो महाशनः ।*
*अदृश्योव्यक्तरूपश्च सहस्रजिदनन्तजित् ॥ ३३ ॥*

**(३०१). *युगादिकृत्* - जो युग निर्माण करता, तो.**
**(३०२). *युगावर्तः* - जो युगाचे आवर्तन म्हळ्यार सोंपयता, तो.**

विश्व निर्माणापासून विश्व समाप्तीपर्यंत चार - कृत, त्रेता, द्वापर आनी कलि - युगांचे आवर्तन आसता. एक एक युग सोंपलें तशें धर्माचो प्रभाव एक-चतुर्थांशान कमी जाता. आनी चार युगांचे एक आवर्तन सोंपलें की विश्वाचें प्रलय जावनुं एक नवीन युगचक्र आनी युगधर्माचि सुरवात जाता. जेन्नां प्रलयाक लागून विश्व नाश जाता तेन्नां अनंत सागरांतु योगनिद्रेंतु आशिले श्रीमन्नारायणाले अदरांतु तें विश्व अप्रकटरूपान सुप्तावस्थेंतु उरता.

**(३०३). नैकमायः - जो अनेक रूपं आपण्याले योगमायेन निर्माण करता, तो.**

विश्व निर्माण जालें कीं अनेक तरेचें प्रकृतीचे अनेक अविष्कार प्रगट जाताचि. वैदिक कालांतु *माया* शब्दाचो अर्थ *प्रज्ञा, धी* आनी *कर्म* म्हण्णुं करचांतु येत आशिलो. यास्काचार्यांनि आपण्याले निरुक्तांतु *माया* शब्दाचो धातु *'मा'* - मापचें आनी *'या'* - एक विशिष्ट आकार दिवचें म्हण्णुं केल्लिलो आसा. *"मीयन्ते परिच्छिद्यन्ते पदार्थाः ।"*.

देकून भगवंत आपण्याले योगमायेन विश्वांतु चेतन अचेतन प्रकृतीक विंग-विंगड आकार दिता. भगवंत आनी तागेलि योगमाया - योगशक्तींतु एक अतूट संबंध आसता. *"लक्ष्मीनारायणाख्यातमतो ब्रह्म सनातनम् । अहंतया समाक्रान्तो ह्यहमर्थः प्रसिद्धति ॥ अहमर्थसमुत्था च साहंता परिकीर्तिता । अन्योन्येनाविनाभावादन्योन्येन समन्वयात् ॥ तादात्म्यं विद्धि संबन्धं मम नाथस्य चोभयोः । अहंतया विनाहं हि निरूपाख्यो न सिद्धति ॥ अहमर्थं विनाहंता निराधारा न सिध्यति । भवद्भावात्मकं रूपं समस्तव्यस्तगोचरम् ॥"* (लक्ष्मी तंत्र) - *अहं* (श्रीमन्नारायण) आनी *अहंता* (श्री लक्ष्मी) मेळ्नुं सदा आशिल्यान तें सनातन ब्रह्मतत्व *लक्ष्मीनारायण* नांवान ओळखुवचांतु येता. *अहंता अहं*-तत्वांतु आशिल्यान तांगेले आप-आपसांतलो संबंध अभिन्न आसता. आपण्यालो आनी आपण्याले स्वामीलो संबंध तादात्म्याचो आसा म्हण्णुं श्री लक्ष्मी सांगता. श्री मध्वाचार्य श्रीलक्ष्मीनारायणांलो लागीचो संबंध *'लक्ष्मीभुजांतरगतः'* हे शब्द वापरनुं करताचि. [illegible] - *'अहंता'* नासल्यार *'अहं'* विष्णु क्रियाशील जायना. आनी *'अहं'* विष्णुशिवाय *'अहंता'* लक्ष्मी निराधार [illegible] श्री कृष्ण *"दैवी ह्येषा गुणमयी मम माया दुरत्यया ।"* *"प्रकृतिं स्वामधिष्ठाय सम्भवाम्यात्ममायया ।"* - [illegible] कता.

**(३०४). *महाशनः* - जो सर्व विश्व नाश जावचाक कारणवी जावनुं आसा, तो.**

*"अहं कृत्स्नस्य जगतः प्रभवः प्रलयस्तथा ।"* (७.६) हांवु सर्व जगाचो उत्पत्ति-लयाचो कारण आसा. *"कालोऽस्मि लोकक्षयकृत्प्रवृद्धो लोकान्समाहर्तुमिह प्रवृत्तः ।"* (११.३२) - लोकाचो नाश करचो महान् काल हांवु आसून लोकक्षयाखातीर प्रवृत्त आसता. *"मयैवैते निहिताः पूर्वमेव निमित्तमात्रं भव सव्यसाचिन् ।"* (११.३३) - हांवे तांका

पयलेंचि मारिलें आसा, तूं आतां केवल निमित्त जा. हे तरेन आपण्याले विनाशकार्याचे गूढ भगवंतान गीतेंतु अ
संदर्भान दाखयलें आसा.

(३०५). *अदृश्यः* - जो कोणांलोयी दृष्टीक पडना, तो.

भगवंताले दर्शन भौतिक दोळ्यान जायना. ताजे खातीर मनुष्याक दिव्य दृष्टी आसचाक जाय. *"न तु शक्यसे द्रष्टुमनेनैव स्वचक्षुषा । दिव्यं ददामि ते चक्षुः पश्य मे योगमैश्वरम् ॥"* (गीता.११.८) - *"एष सर्वेषु भू गूढोत्मा न प्रकाशते । दृश्यते त्वग्र्यया बुध्या सूक्ष्मया सूक्ष्मदर्शिभिः ॥"* - तो सर्व प्राणिजीवांतु गूढ आशिल्या सामान्यांक दीसना *"न संदृशो तिष्ठति रूपमस्य न चक्षुषा पश्यति कश्चिदेनं । हृदा मनीषा मनसाऽभिक्लृप्तो य विदुरमृतास्ते भवंति ॥"* - तागेलें स्वरूप दोळ्यान पोळेवचाक साध्य ना. तें केवल काळजांतु आनी मनांतु दर्शित जा आनी तेचि अमर जाताचि, म्हण्णुं कठोपनिषदांतु सांगल्यां.

(३०६). *व्यक्तरूपः* - जो सर्व रीतीन व्यक्त जाता, तो.

*'पूर्णमदः पूर्णमिदं'* - जो ब्रह्म पूर्ण आसा तोचि हें सर्व जगत् आसा. हे सृष्टीक कारण जावनुं आशिलो सृष्टीचे कणकणांतु समाविष्ट जालिलो आसा. परमात्मालें मूर्त आनी अ-मूर्त हे तरेन तो प्रगट जाता - *"द्वेवाव ब्रह्म रूपे मूर्तं चैवामूर्तं च ।"* म्हण्णुं ब्रहदारण्कोपनिषद म्हणता.

(३०७). *सहस्रजित्* - जो अनेक रीतीन विजयी आसा, तो.
(३०८). *अनंतविजयः* - जो अनंत प्रकारान विजयी आसा, तो.

सर्व सृष्टीचो स्वामी आशिल्यान परमात्मा *'अजेय'*, सदा सर्वदा विजयी आसता. *"अविभक्तं च भूते विभक्तमिव च स्थितम् । भूतभर्तृ च णज्ज्ञेयं ग्रसिष्णु प्रभविष्णु च ॥"* (१३.१७).

*इष्टेऽविशिष्टः शिष्टेष्टः शिखंडी नहुषो वृषः ।*
*क्रोधहा क्रोधकृत्कर्ता विश्वबाहुर्महीधरः ॥ ३४ ॥*

(३०९). *इष्टः* - जो सर्वांक जाय आसता, तो.

सर्व जनांलें मन आकर्शित करत आशिल्यान ताका कृष्ण म्हणताचि. भक्तिचि व्याख्या करताना 'यथा *व्रजगोपिकानाम्'* म्हण्णुं उल्लेख करनुं भगवंत आनी भक्तालो संबंध प्रियकर-प्रेयसिलो म्हण्णुं कल्पना करचांतु येता. ऋग्वेदांतु *"जारः कनीन इव चक्षदानः"* (१.११७) - प्रेमी विषय उदार अशिले तरेन, *"प्रियां न जारो अभिगीत इन्दुः"* (९.९६) - प्रेमीक गायिले गीता तरेन, *"पतिरिव जायाम् अभि नो न्येतु धर्ता दिवः सविता विश्ववारः ।"* (१०.१४९) ... बायले दिकान आयिले तरेन तो देव आमगेले सन्मुख येवूं. *"न वा अरे पत्युः कामाय पतिः प्रियो भवति । आत्मनस्तु कामाय पतिः प्रियो भवति ।"* (बृहदारण्यकोपनिषद). आपूण बायलेले प्रति प्रेय आसका म्हण्णुं घोव बायलेक प्रेय आसना, तर श्री हरीले इच्छेक लागून घोव बायलेक प्रेय आसता इत्यादि तरेन भगवंत भक्तांलो इष्ट आसता.

(३१०). *अविशिष्टः* - जो सर्वालें काळजांतु आसता, तो.

*"अहमात्मा गुडाकेश सर्वभूताशयस्थितः ।"* (१३.१७) *"अजोऽपि सन्नाव्ययात्मा भूतानामीश्वरोपि सन् । प्रकृतिं स्वामधिष्ठाय सम्भवाम्यात्ममायया ॥"* (४.६) म्हण्णुं गीतेंतु सांगचांतु येता.

(३११). *शिष्टेष्टः* - जो सुसंस्कृत जनांलो प्रीतीचो आसा, तो.

*"अनन्याश्चिन्तयन्तो मां ये जनाः पर्युपासते । तेषां नित्याभियुक्तानां योगक्षेमं वहाम्यहम् ।।" "तेषां सततयुक्तानां भजतां प्रीतिपूर्वकम् । ददामि बुद्धियोगं तं येन मामुपयान्ति ते ।। तेषामेवानुकम्पार्थमहमज्ञानजं तमः । नाशयाम्यात्मभावस्थो ज्ञानदीपेन भास्वता ।।"* (गीता. ९.२२; १०.१०-११) - अनन्य मनान उपासना करचे योगींले क्षेमाचो भार हांवु व्हांवता. योगींक आनी प्रीतीन भजचे भक्तांक दिल्लिले बुद्धियोगाक लागून ते मेगेलार्गी येताचि. कृपादृष्टीन ज्ञानाचे प्रकाश पसरावनुं तांगेले अज्ञान नाश करता.

भगवंताले भक्तांक केन्नांयी अपयश ना. *"पार्थ नैवेह नामुत्र विनाशस्तस्य विद्यते । न हि कल्याणकृत्कश्चिद् दुर्गतिं तात गच्छति ।। प्राप्य पुण्यकृतां लोकानुषित्वा शाश्वतीः समाः । शुचिनां श्रीमतां गेहे योगभ्रष्टोऽभिजायते ।। अथवा योगिनामेव कुले भवति धीमताम् । एतद्धि दुर्लभतरं लोके जन्म यदीदृशम् ।।"* (गीता.६.४०-४२). हे लोकांतु किंवा परलोकांतु नाश ना. बरें कर्म करतल्यांले जीवन व्यर्थ जायना, जीवन पवित्र आनी ऐश्वर्य संपन्न जाता. हे तरेचें जीवन जीवचे जन अत्यंत दुर्लभ आसाचि.

## (३१२). *शिखंडी* - जो मुकुटांतु पंख घालता, तो.

मोराचें पंख अस्थिर मनाचे चिन्ह आसा. तें आपण्याले मुकुटांतु धारण करनुं श्री कृष्ण आपण्याले तन आनी मनावयरचें प्रभुत्व दर्शयता. *"आवृतं ज्ञानमेतेन ज्ञानिनो नित्यवैरिणा । कामरूपेण कौन्तेय दुष्पूरेणानलेन च ।। इन्द्रियाणि मनो बुद्धिरस्याधिष्ठानमुच्यते त्र एतैविमोहयत्येष ज्ञानमावृत्य देहिनाम् ।। तस्मात्वमिन्द्रियाण्यादौ नियम्य भरतर्षभ । पाप्मानं प्रजहिह्येनं ज्ञानविज्ञाननाशनम् ।।"* म्हण्णुं गीतेंतु (३.३९-४१) सांगल्या.

## (३१३). *नहुषः* - जो आपण्याले मायाशक्तिन जनांक मोहित करता, तो.

*"ईश्वरः सर्वभूतानां हृद्देशेऽर्जुन तिष्ठति । भ्रामयन् सर्वभूतानि यन्त्रारूढानि मायया ।"* (१८.६१). देकून दर एक मनुष्यान भगवंताक शरण वचका. *"तमेव शरणं गच्छ सर्वभावेन भारत । तत्प्रसादात्परा शान्तिस्थानं प्राप्यसि शाश्वतम् ।।"* (१८.६२). अंतर्यामि आसून कृष्ण सर्वांक आकर्शित करता - *"नियमनादिना सकललोककर्षणात् कृष्णः ।"*

## (३१४). *वृषः* - जो प्रार्थन केलिल्यांक पावता, तो.

*"मन्मना भव मद्भक्तो मद्याजी मां नमस्कुरु । मामेवैष्यसि युक्त्वैवमात्मानं मत्परायणः ।।"* म्हण्णुं गीतेंतु (९.३४) श्री कृष्ण उपदेश करता. प्रार्थना केलिल्यांक तो पावता.

## (३१५). *क्रोधहा* - जो क्रोध नाश करता, तो.

केशवाले दर्शन जालिले दोळ्यांतु क्रोधाचो लवलेश नासता. भगवंतालें दर्शन जाले कीं इन्द्रियांवयलीं सर्व बंधनं तुटताचि आनी जीवाक शांति प्राप्त जाता.

## (३१६). *क्रोधकृत्कर्ता* - जो जनांतु क्रोध उत्पन्न करता, तो.

जेन्नां संसारांतु धर्माक अपकळ्र येता आनी अधर्माचि वाढ जाता, जेन्नां ऋतचक्राचि अवहेलना जावनुं अनृतादिकान मनीसालें मन प्रवृत्त जाता तेन्नां भगवंताक सात्विक क्रोध येता आनी सात्विक जनांले मनांतुबी सत्विक क्रोध उत्पन्न जाता. अनृत नाश करनुं धर्म सधृढ करचाक भगवंत दुष्टप्रवृत्तीचे असुरांलो संहार करता. असले संदर्भांतु भगवंतालो क्रोध लोक कल्याणाखातीर आसता.

## (३१७). *विश्वबाहुः* - जो सर्व बाजून व्यापून आसा, तो.

परमात्माली सीमा सर्व बाजून पसरिल्यान *'अनादिमध्यान्तमनन्तवीर्यमनन्तबाहुं'* आनी *'द्यावापृथिव्योरिदमन्तरं हि व्याप्तं'* म्हण्णुं तागेलें वर्णन करचांतु येता. *अनन्तबाहु* म्हळ्यार चारी दिकान व्याप्त.

**(३१८). *महीधरः* - जो धर्तरी धारण करता, तो.**

विश्व निर्माण केले नंतर ताजे संरक्षण आनी संवर्धन हें भगवंताले कार्य जावनुं आसता. हे धतरिचें रक्षणास्तातीर तो असुरी शक्तिबरोबर संघर्ष करता.

*अच्युतः प्रथितः प्राणः प्राणदो वासवानुजः ।*
*अपानिधिरधिष्ठानमप्रमत्तः प्रतिष्ठितः ॥ ३५ ॥*

**(३१९). *अच्युतः* - जो सदाकाल अचल आसता, तो.**

अंगीरसऋषीलो पुत्र घोर हाणें देवकीपुत्र कृष्णाक मनुष्यान अंत समयाक हे तीन मंत्रांचो ध्यास धरका म्हण्णुं सांगिल्लें - ***"अक्षितमसि अच्युतमसि प्राणसंशितमसि ।"*** - श्री हरि ! तूं नाशरहित आसा, गुणांपासून अच्युत आसा, मुख्यप्राणापेक्षां जास्त सुखस्वरूप आसा. हे तरेन भगवंताले सर्व व्यापकत्व आनी सर्व तरेन स्वतंत्र, सर्वप्रधान आसून जीव-जगत् अस्वतंत्र आनी तागेले आधीन आसा म्हण्णुं ध्यान करका. श्री मध्वाचार्याले मतान छांदोग्योपनिषदेंतु नमूद केल्लिलो देवकीपुत्र कृष्ण भगवान श्री कृष्ण नासताना तो दुसरोचि एक ऋषी आशिल्लो. देकून ताका भगवंताले अक्षय-अच्युत स्वरूपाचें ध्यान करचाक सांगलें. असलो उपदेश भगवावतारी श्री कृष्णाक जरूर ना कारण तो स्वतः परमात्मा आनी अच्युत - जो आपण्याले स्थानापासून केन्नांयी भ्रष्ट जायना.

**(३२०). *प्रथितः* - जो तीन लोकांतु प्रख्यात आसा, तो.**

भगवंताले यश उज्वल आनी अस्तित्व अच्युत आशिल्यान *प्रथितः* नावं भगवद् तत्वांतल्यान पयले प्रथम स्फुरण जावचें शक्तिक ख्याति नावांचे संबंधान महत्वाचें आसा. *"महानिति यतः ख्यातिर्लोकानां जायते सदा ।"* म्हण्णुं मत्स्य पुराणांतु सांगल्यां.

**(३२१). *प्राणः* - जो जीवनांतु चैतन्य स्फुरण करता, तो.**

*"अमृतः प्राणो ब्रह्मैव तेज एव ।"* बृहदारण्यक उपनिषदांतले हे मंत्रावयर भाष्य करताना श्री मध्वाचार्यांनि स्पष्ट करताचि - *"अमृतः कदाऽपि न मृतः प्राणाख्यं परब्रह्मैव । . . . अन्येषाममृतत्वं तु भवेद् विष्णोः प्रसादतः । नित्यामृतः स भगवान् श्रीश्च नान्यः कथंचन । इति नारदीये । प्राणस्तु भगवान् विष्णुः सर्वनेतृत्वतो विभुः ।"* - सर्व जगाक प्रेरक जावनुं आशिलो प्राण श्री विष्णुले प्रसादाक लागून अमर आशिल्यान आनी केवल श्री आनी विष्णुचि नित्य अमृत आशिल्यान प्राण हो भगवंतालो तेजीच जावनुं आसा. *"यदिदं किञ्च जगत् सर्वं प्राण एजति निःसृतम् ।"* जगांतलें सर्व प्राणांतल्यानचि उद्भवता. *"सर्वाणि ह वा इमानि भूतानि प्राणमेवाभिसंविशन्ति प्राणमभ्युज्जिहते ।"* - सर्व प्राणांतु लीन जाता आनी प्राणांतल्यानचि परत अविर्भाव जाता. *"प्राण ब्रह्मेति व्यजनात् ।"* - देकून प्राण ब्रह्म म्हण्णुं जाणका.

ॐकाराचि प्रगति नादशक्तिचें पथप्रदर्शनान जाता. *"अनाहतस्य शब्दस्य तस्य शब्दस्य यो ध्वनिः । ध्वनिर् अंतर्गतं ज्योतिर् ज्योतिर् अंतर्गतं मनः । तन्मनो विलयं याति यद पद विष्णोः परमं पदम् ॥"*. अनाहत नादाचे ज्ञान शब्दांतु, शब्दाचें ध्वनींतु, ध्वनीचें ज्योतींतु, ज्योतीचे मनांतु आनी ते मन विलीन करनुं अच्युत अविनाशी परब्रह्मालें परम पद प्राप्त करका.

**(३२२). *प्राणदः* - जो चैतन्य दिवचि शक्ति जावनुं आसा.**

भगवंतालि चैतन्य शक्तींचि मनुष्याक क्रियाशील करता. ती सुप्तावस्थेंतु आसल्यारि मनुष्यांतु जडता आनी सुस्ति येता, ज्ञानांतु अहंकार आनी भक्तींतु कामवासना येता. देकून सर्व साधनेचे पयलें प्राणाचि प्रतिष्ठा करचि करचि आसता. *"ॐ प्राणस्य नमो यस्य सर्वमिदं वशे । यो भूतः सर्वस्येश्वरो यस्मिन् सर्व प्रतिष्ठितम् ॥"*. कारण प्राणांतूचि सर्व प्रतिष्ठित आसा.

## (३२३). *वासवानुजः* - जो जीवांतले इन्द्रियांक चैतन्य, सहाय्य दिता, तो .

वेदांतु विष्णून इन्द्राक सहाय्य करचें दास्वयल्यां. तो इन्द्रसखा. इन्द्र मनाचो स्वामी आसून इन्द्रियांवयर प्रभत्व दास्वयता. देकून जेन्नां मन योग्य रीतीन प्रेरित जाता तेन्नांचि लोकक्कल्याणकारक कार्य इन्द्रियान संपुश्टांतु येताचि. असले इन्द्रियांवयर प्रभुत्व दास्वोवचे इन्द्राक तो मदत करता.

विष्णुलें दुसरें रूप वामनरूप आसा. *"वामनो ह विष्णुः आस"* म्हण्णुं शतपथ ब्राह्मणांतु सांगल्यां. वामनान तीन लोक पादांकित केल्लियान ताका त्रिविक्रम म्हणताचि. तागेलो संबंध शरीरांतले सुषुम्ना नाडीबरोबर आसून तागेले उपासनेन शारीरिक मल, मानसिक विक्षेप आनी बुद्धिचो अहंकार नाश जाता. *"ऊर्ध्वं प्राणमुन्नयति अपानं प्रत्यगस्यति । मध्ये वामनमासीनं विश्वेदेवा उपासते ॥"* म्हण्णुं कठोपनिषदेंतु (२.२.३) सांगता. श्री मध्वाचार्यांले मतान *"न केवलं प्राण एव चेतनानां विधारकः । किंतु विष्णुं समाश्रित्य प्राणो जीवान् मिमर्त्ययं । अतो मुख्याश्रयो विष्णुः चेतनानां स्वतंत्रतः ॥"* - केवल प्राण न्हंय तर विष्णुले आश्रयान तो जीवांलें चैतन्य जागें करता. देकून *"तद्विप्रासो विपन्यवो जागवाँ सः समिन्धते । विष्णोर्यत् परमं पदम् ।"* - केवल ज्ञानी जन *(विप्र)* भक्त *(विपन्यु)* आनी सदा जागे आसचो साधक *(जागृवां)* विष्णुलें परम पद प्राप्त करताचि.

## (३२४). *अपांनिधिः* - जो चैतन्याचें भाण्डार जावनुं आसा, तो.

उदाक चैतन्याचें प्रतीक आसून सृष्टी निर्माण जावचे पयलें ते सृजनशील शक्ति स्थान आसून ते चैतन्यशक्तीवयर श्रीमन्नारायण विराजमान आसता. वेदांतु ते शक्तीक *अम्भसः, आपः सलिलं - गूढ, ऊर्ध्व आनी प्रगतिशील* म्हण्णुं संकेत केलिलें आसा. ती सर्जन शक्ति भाण्डार मापचें अशक्य आशिल्यान ताका गीतेंतु *'महद् ब्रह्म'* म्हळ्ळां.

शतपथ ब्राह्मणांतु (११.१.६.१) हे सृजनशील शक्तिभाण्डारांतल्यान विविध तरेचें विश्व निर्माण जालिलें वर्णन केल्यां. *"आपो ह वाऽइदमग्रे सलिलमेवास । ता अकामयन्त कथं नु प्रजायेमहीति ता अश्राम्यँस्तास्तपोऽतप्यन्त । तासु तप्स्तप्य मानासु हिरण्मयमाण्डं संबभूव ॥"*

## (३२५). *अधिष्टानम्* - जो सर्व विश्वाचो आधार जावनुं आसा, तो.

अर्जुन गीतेंतु भगवंताक *'जगन्निवास', 'सदसत्तत्परम्', 'आदिदेव', 'विश्वस्य परं निधानम्', 'विश्वमनंतरूपम्', 'पितासि लोकस्य चराचरस्य'* म्हण्णुं संबोधन करता. श्री कृष्णबी *"विष्टभ्याहमिदं कृत्स्नमेकांशेन स्थितो जगत्"* म्हण्णुं आपण्यालि विभूति दर्शयता.

## (३२६). *अप्रमत्तः* - कोणांक आलस्य नाशिल्यान सदा जागृत आसता, तो.

विष्णुलें व्यक्तिमत्व सदा प्रगतिशील आशिल्यान ताका आलस्य आसना. जेन्नां कर्म करना म्हण्णुं दिसता तेन्नांयी तो कर्म करत आसता, कारण तागेले प्रेरणेशिवाय झाडाचे पानबी हालना. आनी कर्म केल्यारियी ते कर्मामागशीं कामभावना फलाचि इच्छा नाशिल्यान कर्म करनुंबी तो अ-कर्मी आसा. तो प्रलयकालांतुबी जो सदा जागृत आसता. *"यः प्रलयादिषु जीवेषु सुप्तेषु जागर्ति सः विष्णुः परं ब्रह्मेत्यर्थः ।"* आनी *"यः प्रदुर्भावगो विष्णुः देहादिषु च संस्थितः । स एव मूलरूपश्च साक्षान्नारायणाभिधः ॥"* म्हण्णुं श्री मध्वाचार्यांले भाष्य आसा. तो सर्वकाल जागृत आशिल्यान ऋत

चक्र खंडित जायना. तो सूर्यातरेन अविरत आनी अबाधित चलत आशिल्यान वैदिक ऋषि *"सूर्यस्य पन्था अनुच"* म्हण्णुं सांगता. ऐतरेय ब्राह्मणांतु ऋषी सांगता *"सूर्यस्य पश्य श्रेमाणं यो न तन्द्रयते चरन् ।"*

देकून फलाचि अपेक्षा करत नासताना आपण्यालें कर्तव्य कर्म करचांतूचि मानव धर्माचें श्रेय आसता म आपण्यालें स्वत:चें उदाहरण दीवनु श्री कृष्ण सांगता. *"न मे पार्थास्ति कर्तव्यं त्रिषु लोकेषु किंचन । नानवाप्तमवा वर्त एव च कर्मणि ॥"*

### (३२७). *प्रतिष्ठित:* - जो सुस्थितींतु किंवा सृष्टींतु प्रतिरूपान आसा, तो.

भगवंत नित्य आनी स्वयंप्रेरणेन स्वत:चे मूल रूपांतु आनी प्रतिरूपांतु प्रतिष्ठित आसा. *"एक: सर्वभूतांतरात्मा रूपं रूपं प्रतिरूपो बहिश्च ।"*. जेन्नां नारद सनत्कुमाराक विचारता *"स भगव: कस्मिन् प्रतिष्ठित: इति* तेन्नां ताका उत्तर मेळ्ता - *"स्वे महिम्नि यदि वा न महिम्नि इति ॥"* - आपण्याले स्व-स्वरूपभूत महिमेंतु आ घेता शिवाय विंगड स्वंयचांतूचि ना.

*स्कन्द: स्कन्दधरो धुर्यो वरदो वायुहन: ।*
*वासुदेवो बृहद्भानुरादिदेव: पुरन्दर: ॥ ३६ ॥*

### (३२८). *स्कन्द:* - जो उत्क्रमण करता, तो.

जेन्नां परब्रह्माशिवाय आनी कांय नाशिलें, जेन्नां अज्ञानरूपी तमस् पसरिलो तेन्ना अद्वितीय परमात्मा स्वरूपांतु आपण्याले शक्तिसयत आशिलो. जेन्नां तागेले मनांतु इच्छा स्वरूपान शक्ति उद्भवलि तेन्नां तो ब्रह्मन् उत्क जालो आनी सृष्टी निर्माण जालि.

*"शरीरं यदवाप्नोति यच्चाप्युत्क्रामतीश्वर: । गृहीत्वैतानि संयति वायुर्गन्धानिवाशयात् । श्रोत्रं चक्षु: स्पर्शन रसनं घ्राणमेव च । अधिष्ठाय मनश्चायं विषयानुपसेवते ॥ उत्क्रान्तं स्थितं वापि भुञ्जानं वा गुणान्वितम् । वि नानुपश्यन्ति पश्यन्ति ज्ञानचक्षुष: ॥"* म्हण्णुं गीतेंतु (१५.८-१०) श्रीकृष्ण स्कन्दभावनेचें विवेचन करता.

*"तस्मैमृदितकषामाय तमस: पारं दर्शयति देवर्षये नारदाय भगवान् सनत्कुमार: । तं स्कन्द इत्याचक्षते स्कन्द इत्याचक्षते ॥"* - देवर्षी नारदाक अंध:काराचे पेल्तडेचे प्रकाशांतु व्हेलिल्यान सनत्कुमारालो **स्कन्द** - उत्क्र करचो ऋषी - म्हण्णुं छांदोग्योपनिषदांतु म्हण्णुं उल्लेख केल्लिो आसा.

### (३२९). *स्कन्दधर:* - जो उत्क्रमण करचि शक्ति धारण करता, तो.

श्रीमन्नारायणालि उत्क्रमण शक्ति म्हळ्यार श्रीलक्ष्मी आसून तिका तो सदा धारण करनूचि आसता. पांच आगम म्हण्णुं प्रसिद्ध आशिले *लक्ष्मी तंत्रांतु* (२.१०-१२) सांगल्यां *"निस्तरङ्गामृताम्भोधिकल्पं षाड्गुण्यमुज्ज्वलम् । तच्चिद्घनं शान्तमुदयास्तमयोज्झितम् । अपृथग्भूतशक्तित्वाद् ब्रह्माद्वैतं तदुच्यते । तस्य या परमा शक्तिर्ज्यो हिमदीधिते ॥ सर्वावस्थागता देवी स्वात्मभूतानपायिनी । अहंता ब्रह्मणस्तस्य साहमस्मि सनातनी ॥"* - तो ब्रह्म षड्गुणसंपन्न आसून वृत्तिशिवायचे अमृत सागरांतु शांत आनी अद्वितीय स्वरूपान आसता. ते स्थितींतु तो ब्र आपण्याले शक्ति पासून विलग आसना. तागेलि ती परम ज्योत, चन्द्राचो प्रकाशातरेन विंगड कोणिंयी नासताना, ते ब्रह्मन्चि *अहंता* रूपान आसा.

संसारांतु उत्क्रमण करचं माया शक्ति श्री लक्ष्मीदेवी आसुन तिका श्रीमन्नारायण तीचि सहधर्मचारिणी आसा.

(३३०). *धुर्यः* - जो विश्वाचे भार व्हावता, तो.

विश्वनिर्माण जाले नंतर ताजे निर्वाहनकार्य परामात्मालागीं आसता. तागेलें तें कार्य तीन क्षेत्रांतु - भूत, प्राण आनी आत्म क्षेत्रांतु - कार्यान्वित जाता. भूतक्षेत्रांतु वैश्वानर अग्निरूपान तो प्राणिजीवांक शक्ति आनी तेज दिता. *"अहं वैश्वनरो भूत्वा प्राणिनां देहमाश्रितः । प्रणापानसमायुक्तः पचाम्यन्नं चतुर्विधम् ॥"* (गीता.१५.१४). प्राण रूपान मनुष्याले अंतःकरणांतले तेजस् प्रकाशिता, प्रगतिशील आसता. *"प्राण एव ब्रह्मणश्चतुर्थः पादः । स वायुना ज्योतिष्भाति च तपति च । भाति च तपति च कीर्त्या यशसा ब्रह्मवर्चसेन य एवं वेद ।"* हे तरेन सत्प्रवृत्ति प्रकाशित करनुं आनी दुष्ट प्रवृत्ति जळेवनुं कीर्ति, यश आनी ब्रह्मवर्चस्व प्रदान करता म्हण्णुं छांदोग्योपनिषदांतु सांगल्या. आत्मक्षेत्रांतु परमात्मा दरएक जीवाक तांगतांगेले कर्मानुसार तांका प्रकाशाचे पेल्तडेन अशिले सूर्यांतर्गत ज्योतीचें दर्शन जावचे स्थातीर प्रेरित करता. *"आदित् प्रत्नस्य रेतसो ज्योतिः पश्यन्ति वासरं । परो यदिध्यते दिवा । उध्वयं तमसस्परि ज्योतिष्पश्यन्त उत्तरं । स्वः पश्यन्त उत्तरं । देवं देवत्रा सूर्यमगन्म ज्योतिरुत्तममिति ।"* (छांदोग्योपनिषद). हे तरेन सर्व कांय भगवंत प्रभावित करत आसल्यारियी तो स्वतः निश्चल आनी निश्क्रिय आसता.

(३३१). *वरदः* - जो अनुग्रह करता, तो.

*"ज्ञानदानं तु देवानां फलदानं च कर्मणाम् विष्णुना विहितं पूर्वं ।"* (श्री मध्वाचार्य). मनुष्यालें स्वंयचेयी कार्य परमात्माले अनुग्रह आनी शक्ति प्रदान जाले शिवाय सफल जायना. देकून भगवंताले उजवो हात केन्नांयी अभयदायी आनी दाव्वो हात वरदायी म्हण्णुं संबोधन करताचि. भगवंताले अभय आनी वरदशक्तिचो साक्षात्कार भक्तांक हृदयांतु, ज्ञानी जनांक भ्रू-मध्यांतु आनी योगींक नाभींतु जाता. जे जे तरेन मनुष्य भगवंताक शरण वता ते ते तरेन तागेले काळजांतले अहंकार क्षीण जाता आनी थंय भगवंताली कृपादृष्टी पसरता.

परमात्माले ध्यान *ॐ नमो वासुदेवाय* म्हण्णुं केलिल्यान सामान्य जनांले जीवनबी पावन जाता. *"नीलोत्पलश्यामं तथैव चतुर्भुजं । दक्षिणार्धे स्थितं पद्मं गयाञ्चाधः प्रचोदयात् ॥ वामेर्धः चक्रमतुल मूर्ध्ने शङ्खं च बिभ्रतं । चिन्तयेत् वरदं देवं सर्वमन्यं पूर्ववत् ॥"*

(३३२). *वायुवाहनः* - कोणांले वाहन वायु आसा, तो.

*"प्राणनामा वासुदेवो मोक्षं स्वान् प्रणयेच्यतः ।"* (श्री मध्वाचार्य). प्राणाचे मुखांतर वासुदेव भक्तांक मोक्षादिकान व्हरता म्हण्णुं तो स्वतः प्राण म्हणोवनुं घेता.

छांदोग्योपनिषदांतु *"वायुर्वा व संवर्गः । . . . प्राणोर्वा वाव संवर्गः"* यप्पुलें अधिदैविक आनी अध्यात्म रूप दाखयल्यां. प्रलयकालांतु अग्नि उपशमन जाताना, सूर्य अस्त जाताना, चन्द्र अस्तंगत जाताना, उदाक सुक्ताना तांगेले अधिदैविक रूपांक परमात्मा आपण्याले आध्यात्मिक मुख्यप्राणाचे रूपान मोक्षप्रदान करता. *"प्राणस्तु भगवान् विष्णुः सर्वनेतृत्वतो विभुः । तेजस्तु सर्वतेजस्त्वात् श्रीरेव समुदाहृता ॥"* म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य स्पष्टीकरण दिताचि.

(३३३). *वासुदेवः* - जो देव सर्वत्र आसता, तो.

*"आच्छादयति सर्वं वासयति वसति च सर्वत्र इति वासुः । देवशब्दार्थः उक्तः पुरस्तात् । . . . छादयामि जगद्विशं भूत्वा सूर्य इवांशुभिः । सर्वभूताधिवासश्च वासुदेवस्ततोस्म्यहं ॥"* (श्री मध्वाचार्य). पुण वासुदेव शब्दाचो यथार्थ-अनुभव जन्म जन्मांतरान जाता. "बहूनां जन्मनामन्ते ज्ञानवान्मां प्रपद्यते । वासुदेवः सर्वमिति स महात्मा सुदुर्लभः ॥" म्हण्णुं श्री कृष्ण गीतेंतु (७.१९) उद्गार काडता.

(३३४). *बृहद्भानुः* - जो महान् प्रकाश धारण करचो सूर्यातरेन आसा, तो.

*"बृहन्तो भानवो यस्य चन्द्रसूर्यातिगामिनः । तैर्विश्वं भासयति यः स बृहद्भानुरुच्यते ॥"* म्हण्णुं महाभारत सांगल्यां.

*"वेदाहम् एतं पुरुषं महान्तम् आदित्यवर्ण तमसः पुरस्तात् ।"* म्हण्णुं ऋषी हे ज्योति विषय उद्गार काढ सर्वस्य धातारम् अचिन्त्यरूपम् म्हण्णुं गीतेंतु सांगल्यां. *"उद्वयं तमसस्परि ज्योतिष्पश्यन्त उत्तरम् । देवं देवत्रा सूर्यम् अ ज्योतिरुत्तरम् ॥"*

(३३५). *आदिदेवः* - **जो सर्वापयलो देव आसा, तो.**

*"त्वमादिदेवः पुरुषः पुराणः ।"* म्हण्णुं अर्जुन भगवंतालि स्तुति करता. "आदि कारणं, स चासौ देवश्च आदिदेवः ।" (श्री शंकराचार्य)

**(३३६). पुरन्दरः - कोणें आपण्याले शरीरावयर विजय मेळयल्या, तो.**

सामान्य भाशेंतु *'पुर'* म्हळ्यार शहर. पुण पुर शब्दाक शरीर म्हण्णुं बी अर्थ आसा. आनी तांतूंत आसचें चैत म्हळ्यार परमात्मा जावनुं आसा. जे तरेन असुरांली शहरं उध्वस्थ केलिल्यान इन्द्राक पुरंदर म्हण्णुं नांव पडलें, तेंचि तरे जो कोण शरीरावयर प्रभुत्व मेळयता, तोबी पुरंदर म्हण्णुं घेवू शक्ता. "इन्द्रियाणि मनो बुद्धिरस्याधिष्ठानमुच्यते एतैर्विमोहयत्येष ज्ञानमावृत्य देहिनाम् ॥ तस्मात्त्वमिन्द्रियाण्यादौ नियम्य भरतर्षभ । पाप्मानं प्रजहि ह्ये ज्ञानविज्ञाननाशनम् ॥" (गीता.३.४०-४१) - कामरूपी शत्रु इन्द्रियं, मन आनी बुद्धि हे तीनांतु निवास करनुं आसता जे जन इन्द्रियांचे संयमन करताचि तेचि ज्ञानत्रविज्ञान नाश करचे हे पापीवयर विजय पावताचि.

हृषीकेश हेंबी विष्णुले एक नांव आसून ताजो अर्थ *"हृषीकाणीन्द्रियाण्याहुस्तेषामीशो यतो भवान् हृषीकेषस्ततो विष्णो ख्यातो देवेषुकेशव ॥"*. इन्द्रियांवयर विजय पाविलो विष्णू म्हण्णुं जाता.

*अशोकस्तारणस्तारः शूरः शौरिर्जनेश्वरः ।*
*अनुकूलः शतावर्तः पद्मो पद्मनिभेक्षणः ॥ ३७ ॥*

(३३७). अशोकः - **कोणाक शोक ना, तो.**

ब्रह्मतत्वांतु शोकादि विकारांक आश्रय ना. कारण ईशावास्योपाननिषदांतु (७) सांगिल्ले तरेन *"यस्मिन् सर्वाणि भूतानि आत्मैवभूत् विजानतः । तत्र को मोहः कः शोकः एकत्वं अनुपष्यतः ॥"* सर्वांलो आश्रय जावनुं आशिल परमात्माक सृष्टींतले स्वंयचे विषयाक लागून मोह जातालो आनी तें मेळ्ळें ना म्हण्णुं कसलो शोक आसतालो *"यस्मिन् परमात्मनि सर्वभूतानि स परमात्मेव तत्र सर्व भूतेषु आभूत् । एवं सर्व भूतेषु एकत्वेन परमात्मनं विजानत को मोहः ?"* - जे परमात्मांतु सर्वांनि आश्रय घेतिलो आसा, तो एकचि अनादिकालापासून सर्वांलो नियामक आ म्हण्णुं जाणतल्यांक मोह स्वंयचान येतालो ? म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य विचारताचि.

(३३८). *तारणः* - **जो संसारांतल्यान पेल्तडेन पावोवचो सेतु जावनुं आसा, तो.**

तो *'अमृतस्य परं सेतुः'* आशिल्यान *"संसारसागरात् तारयतीति तारणः"* म्हण्णुं श्री शंकराचार्य अर्थ दिताचि भगवंतूचि मनुष्यांक संसारांतल्यान पेल्तडेन पावोवचो सेतु जावनुं आसा.

(३३९). *तारः* - **जो रक्षण करता, तो.**

*"गर्भजन्मजरामृत्युलक्षणाद् भयात् तारयतीति तारः ।"* - आयु-आरोग्य आनी जनन-मरणाचे भयापासून भक्तांक तो मुक्त करता.

(३४०). *शूरः* - **जो शूर आनी पराक्रमी आसा, तो.**

परमात्माले पराक्रमांचे वर्णन जाल्लिले वैदिक ऋचांचो अर्थ समजून विष्णुलें संकीर्तन करचाक जाय. *"तमु स्तोतारः पूर्व्यं यथा विद् ऋतस्य गर्भं जनुषा पिपर्तन । आस्य जानन्तो नाम चिद्विवक्तन महस्ते विष्णो सुमतिं भजामहे ॥"* (ऋ.१.१५६.३).

(३४१). *शौरिः* - **जो शूर वीर आसा, तो.**

*"प्र तद्विष्णुः स्तवते वीर्येण मृगो न भीमः कुचरो गिरिष्ठाः । यस्योरुषु त्रिषु विक्रमणेष्वधिक्षियन्ति भुवनानि विश्वाः ॥"* (ऋ.१.१५४.२). विष्णु आपण्याले त्रिविक्रम रूपान विश्वाचें धारण, रक्षण आनी पोषण करता. मनुष्यांतु जें कांय पौरुष किंवा शक्ति आसा, तें सर्व श्री कृष्णाले कृपेनचि प्राप्त जाल्लिली आसताचि म्हण्णुं श्री वल्लभाचार्याले मत आसा. - *"यात्कंचित् पौरुषम् पुंसाम् एतद् कृष्णकृपा साधिताम् ।"*.

(३४२). *जनेश्वरः* - **जो जनांले हृदयांचो स्वामी आसा, तो.**

*"एष म आत्मांऽतर्हृदयेऽणियान् व्रिहेर्वा यवाद्वा सर्षपाद्वा श्यामाकाद्वा श्यामाकतंडुलाद्वा । एष म आत्मांतर्हृदये ज्यायान् पृथिव्या । ज्यायन् अंतरिक्षात् । ज्यायन् दिवो । ज्यायान् एभ्यो लोकेभ्यः ॥"* (मुंडकोपनिषद) - मेगेले हृदयांतु तांदळापेक्षां, यवापेक्षां, सासमापेक्षां, दाळीपेक्षां, दाळीचे सालापेक्षां अणुसादृश्य आसचो परमात्मा पृथ्वी, अंतरिक्ष आनी स्वर्गापेक्षां जास्त महान् आसा.

(३४३). *अनुकुलः* - **जो केन्नांयी भक्तांविषय सुखद आनी सहाय्यक आसा, तो.**

सुख वस्तु तीचि आसा जी सुरवातेक, मदें आनी अखेर पर्यंत जीवाक प्रसन्नता दिता. नित्य आशिले सुखचि सत्यस्वरूप आसता. असलें सुख सर्वकाल सर्व संदर्भांतु केवल परमात्मसरूप आसा. *"यत् लाभात् ना परो लाभो यत् सुखात् ना परं सुखम् । यत् ज्ञानात् ना परं ज्ञानं तद् ब्रह्मेत्यैवधारयेत् ॥"* - जे लाभापेक्षां श्रेष्ठ लाभ दुसरें ना, जे सुखापेक्षां श्रेष्ठ सुख दुसरें ना, जे ज्ञानापेक्षां श्रेष्ठ ज्ञान दुसरें ना तें निश्चितरूपान ब्रह्मस्वरूप आसा.

(३४४). *शतावर्तः* - **कोणांले आवर्तन परत परत करचांतु येता, तो.**

हृदयांतु आसचे परमात्मालें अस्तित्व सुखद, श्रेयस्कर, सहाय्यक आनी अनुकूल आशिल्यान तार्जे स्मरण, मनन, चिंतन आनी निदिध्यास परत परत करचें मनुष्यालें आध्यात्मिक प्रगतीक पोषक आसता. जें अजन्मा, आप्तकाम आनी सर्व तरेन संपूर्ण आसा तेंचि मनुष्याले हृदयांतु आसा. *"यो वेद निहितं गुहायां परमे व्योमन् सोऽश्नुते सर्वान् कामान् सह ब्रह्मणा विपश्चिता इति ।"* (तैत्तिरीय उपनिषद) - जो मनुष्य आपण्याले हृदयाचे गुहेचे सूक्ष्माकाशांतु आसचे परब्रह्माचे ज्ञान संपादन करता तो ब्रह्मासयत सर्व सुख प्राप्त जावनुं दुःखांतल्यान सुटकारो पावता.

(३४५). *पद्मी* - **जो हातांतु कमल धारण करता, तो.**

कमल हें निर्मलत्तेचें प्रतीक आनी कमलाचें पान अनासक्तिचे प्रतीक आसा. *"ब्रह्मण्याधाय कर्माणि सङ्गं त्यक्त्वा करोति यः । लिप्यते न स पापेन पद्मपत्रमिवाम्भसा ॥"* (गीता.५.१०). आपण्यान जन्म घेवचे वातावरण कलुशित

आसल्यारियी सूर्याचे प्रकाशान प्रभावित जावचे कमलातरेन मनुष्याले जीवन संसारसागरांतले विषयान आक्र जायनासताना भगवंताले कृपादृष्टीसकयल शोभचें साहस करका.

जशें जशें सूर्य अंतराळांतु भ्रमण करता तशें तशें सूर्य प्रकाशान प्रभावित जावचे कमलबी आपण्याले मुख तें दिशेन फिरयता. तेचि तरेन मनुष्यालि दृष्टी अंतरात्मांतु आशिले परमात्माले तेजादिकान केन्द्रित करका. योग शास्त्र शरीरांतले आठ कमलं विकसित करचि प्रक्रिया दाखयिली आसा. आनी विष्णुलें परमपदाचि विस्तृत आनी व्याप्त अमृतानंद जेन्नां हे सहस्रकमलांचे विकासानचि जाता.

(३४६). *पद्मनिभेक्षण:* - कोणांले दोळे कमलातरेन विशाल आसाचि, तो.

परमात्मालें दोळे कमला तरेन निर्मल, मुक्त आनी लाल तांबूस रंगाचे आसून तांतु उल्हास, ओजस्, तेज आनी आत्मायतेचें भाण्डार आसा. देकून श्री तेजस्वी लक्ष्मीलें सहृदय वास्तव्यबी कमलांतु आसता.

*पद्मनाभोऽरविन्दाक्ष: पद्मगर्भ: शरीरभृत् ।*
*महर्द्धिर्ऋद्धो वृद्धात्मा महाक्षी गरुडध्वज: ॥ ३८ ॥*

(३४७). *पद्मनाभ:* - कोणांली बेंबली कमलातरेन आसा, तो.

नाभि सृजनशीलतेचे उगमस्थान आसा. देकून श्रीमन्नारायणाले बेंबलींतल्यान सृष्टी विकसित जाता. नाभि अविनाशित्वाचें आनी अमृतत्वाचें केन्द्र आसा. देकून तांतूतल्यान अनंत विश्वांचे निर्माण निरंतर जायत आसता. *"अजस्य नाभावध्येकमर्पितं यस्मिन्विश्वानि भुवनानि तस्थु: ।"* (ऋ.१०.८२.६).

नाभींतल्यान नाद, प्रकाश आनी शक्तिचो उगम जाता. ॐकाराचो उगम जावनुं विश्वांतु परमात्मालें अस्तित्व ओत-प्रोत पसरायता. भागवत पुराणांतु चतुर्मुख ब्रह्म भगवंताले वर्णन करता. *"यन्नाभिपद्मभवनादहमासमीड्य लोकत्रयोपकरणो यदनुग्रहेण । तस्मै नमस्त उदरस्थभवाय योगनिद्रावसानविकसन्नलिनेक्षणाय ॥"* - कोणांले बेंबलींतल्यान हांवु उत्पन्न जालिलो आसा, कोणांले अनुग्रहान हांवु तीन लोकांचे निर्माण करत आसा, कोणांले पोटांतु संपूर्ण विश्व आसा, योगनिद्रा सोंपली कीं कोणांले दोळे प्रफुल्लित जाताचि ते परमात्माक हांवु नमस्कार करतां.

(३४८). *अरविंदाक्ष:* - कोणांले दोळे नीलकमला तरेन आसाचि, तो.

निळे रंग अनंत आनी गहन परमात्माचें निदर्शन करता. जें अनंत आसा तें मनुष्य मापु शकना, परमात्माले अदमास घेवचाक मनुष्याली शक्ति अपूरी पडता. वास्तविक स्वंय तर्क काम करना थंय शरण गेल्लियान सफलता मेळता. देकून भगवंतान अर्जुनाक उपदेश दिल्लिलो आसा चेतसा सर्वकर्माणि मयि संन्यस्य मत्पर: । बुद्धियोगमुपाश्रित्य मच्चित्त: सततं भव ॥ . . . तमेव शरणं गच्छ सर्वभावेन भारत । तत्प्रसादात्परां शान्तिस्थिानं प्राप्यसि शाश्वतम् ॥ (गीता.१८.५७ आनी ६२. नारदाक सांगचांतु येता *"नाहं वसामि वैकुंठे योगिनां हृदये च । मद्भक्ता यत्र गायन्ति तत्र तिष्ठामि नारद ॥"*.

देकून श्री मध्वाचार्य *"ज्ञानपूर्व: पर: स्नेहो नित्यो भक्तिरितीर्यते ॥"* म्हण्णुं भक्तिचि व्याख्या करताचि. *"अजातपक्षा इव मातरं खगा: स्तन्यं यथा वत्सतरा: क्षुधार्ता: । प्रियं प्रियेव व्युषितं विषण्णा मनोऽरविन्दाक्ष दिदृक्षते त्वाम् ॥"* - जे तरेन पक्षिलीं पंख नाशिले पोरं आवयली वाट पळयताचि, जे तरेन भूख लागिलें वासरूं आवयले दूधाचि वाट पळयता, जे तरेन प्रेयसी आपण्याले प्रियकर भेटचाक वाट पळयता ते तरेन, कमलातरेन दोळे अशिले देवा, तुगेले दर्शनाखातीर मेगेलें मन आतुर आसा म्हण्णुं वृत्तासुर प्रार्थना करता.

(३४९). *पद्मगर्भ:* - कोणांले भक्तीचें स्थान कमलातरेन निर्मल आसा, तो.

भगवंतालीं पद्मनाभ, अरविंदाक्ष आनी पद्मगर्भ हीं नांवं तागेले नाभिकमल, नेत्रकमल आनी हृदयकमलं दर्शयता, जीं योग, ज्ञान आनी भक्तिचीं उगम स्थान जावनुं आसाचि. स्वंय योग, ज्ञान आनी भक्तिचे मिलन जाता थंय भगवद्दर्शनाचो साक्षात्कार जाता.

## (३५०). *शरीरभृत्* - जो शरीराचें पोशण करता, तो.

मनुष्यालें शरीराचें पोशण जावचें अध्यात्म प्रगती स्तातीर अत्यंत अगत्याचें आसा. देकून तो *"बहिरन्तश्च भूतानामचरं चरमेव च । सूक्ष्मत्वात्तदविज्ञेयं दूरस्थं चान्तिके च तत् ॥ अविभक्तं च विभक्तमिव च स्थितम् । भूतभर्तृ च तज्ज्ञेयं ग्रसिष्णुं प्रभविष्णुं च ॥"* (गीता.१३.१६-१७). शरीर समृद्ध करचाक भगवंत आपण्याले वामनस्थान प्राणाचे मुखांतर चैतन्य जागयता.

## (३५१). *महर्द्धिः* - कोणांली बुद्धि किंवा विभूति महान् आसा, तो.

*"वेदाहमेतं पुरुषं महान्तं"* आनी *"बण्महाँ असि सूर्य बळादित्य महाँ असि । महस्ते सतो महिमा पनस्यतेऽद्धा देव महाँ असि ।"* म्हण्णुं वैदिक ऋषानि उद्गार काडिले आसाचि.

*'शरीरभृत'* नांवानंतर आयिलें हें *'महर्द्धी'* नांव मनुष्याले अंतःकरणांतु आशिले परमात्माली महिमा महान् आनी असीम आसा म्हण्णुं दाखयता.

## (३५२). *ऋद्धः* - जो सर्व विश्व व्यापून आसा.

*"प्रपंचरूपेण वर्धमानत्वात् ऋद्धः"* प्रपंचाचे रूपान तो विस्तार पाविलो आसा म्हण्णुं श्री शंकराचार्य स्पष्टीकरण दिताचि. परमात्माले व्यापक अनुग्रहशक्तिक लागून मनुष्याक मोक्ष प्राप्त जाता.

## (३५३). *वृद्धात्मा* - जो आत्मा पुरातन आसा, तो.

*"आत्मैवेदमग्र आसीत् । पुरुषविधः ।"* बृहदारण्यकोपनिषदाचे हे मंत्रावयर भाष्य करताना श्री मध्वाचार्य म्हणताचि - *"इदमग्रे एतस्याग्रे परमात्मैवासीत् । ततः पुरुषोविध ब्रह्मासीत् । पुरुषो विष्णुः । . . . एतस्य जगतो ह्यग्रं अमध्यारायणः परः । एक एव श्रीया सार्ध तमात्मा पुरुषेत्यपि ।"* - श्रीमन्नारायणूचि पयलें प्रथम श्रीलक्ष्मीसयत आशिले. देकून तागेली स्तुति पुरातन काळापासून जायत आसता. तो *'तवस्तवीयान्'* - वृद्ध म्हळ्यार पुरातन आसा. *"यः पूर्व्याय वेधसे नवीयसे सुमज्जानये विष्णवे ददाशति ।"* (ऋ.१.१५६.२).

वृद्ध म्हळ्यार *'परिपूर्ण अनादिर्वा ।'* - जो सर्व तरेन पूर्ण किंवा पुरातन आसा, तो. *"यस्य दिव्यं हि तद्रूपं ह्रसनं वर्धनं न च ।"* - भगवंताले स्वरूपाक वृद्धि किंवा अवनती ना.

## (३५४). *महाक्षः* - कोणांलि दृष्टी महान् आसा, तो.

मनुष्यालीं दृष्टी सीमित आसता. भगवंतालीं दृष्टी व्यापक आसून तागेले अनुग्रहान जीवांक ज्ञानचो विस्तार जाता.

## (३५५). *गरुडध्वजः* - कोणांले ध्वजावयर गरुड पक्षीलें चिन्ह आसा.

ध्वज शूर पुरुषाले व्यक्तिमत्वाचे संकेत करता. गरुड पक्षी गती निदर्शन करता म्हण्णुं तो प्रगतीचो चिन्ह जालो. देकून श्री विष्णून ताका आपण्यालें वाहन केलें. गरुडान आपण्याले आवयक दास्यत्वांतल्यान मुक्त करचें श्रेय मेळयलें. देवांखातीर ताणें अमृत हाडलें. तो महानुभाव विष्णुलें वाहनरूपान मनुष्यांक प्रगती आनी अमरत्व प्रदान करता.

गरुडाबरावरचे निकट संबंधाक लागून विष्णु *'वि'* म्हळ्यार उडचें देकून *वि + स्नु* म्हळ्यार उडचि पक्षी. *'सुपर्ण गरुत्मान्'* (ऋ.१.१६४) *'पतङ्ग'* (१०.१८९) म्हण्णुं वर्णित जाल्लिलो आसा.

*अतुलः शरभो भीमः समयज्ञो हविर्हरिः ।*
*सर्वलक्षणलक्षण्यो लक्ष्मीवान् समितिंजयः ॥ ३१ ॥*

**(३५६). *अतुलः* - कोणांली तुलना करचाक जायना, तो.**

*"न तस्य प्रतिमा अस्ति यस्य नाम महद्यशः ।"* तागेले समसमान रूप आसचें कोणांकयी साध्य ना म्हण्णु यजुर्वेदांतांणु सांगल्या. *"नास्ति नारायणसमं न भूतं न भविष्यति । एतेन सत्यवाक्येन सर्वार्थान् साधयाम्यहम् ॥"* म्हण्णुं श्री वेदव्यास महाभारतांतु प्रमाण दिताचि. *"न त्वत्समोऽस्त्यभ्यधिकः कुतोऽन्यो लोकत्रयेऽप्यप्रतिमप्रभाव: ॥"* - तीन लोकांतु जेन्नां तुगेले तसलो ना तेन्नां तुगेले पेक्षां अधिक श्रेष्ठ कोण आसूं शक्तालो म्हण्णुं गीतेंतु (११.४३) अर्जुन प्रश्न करता.

**(३५७). *शरभः* - जो शरीर प्रकाशित करता, तो.**

*"इदं शरीरं कौन्तेय क्षेत्रमित्यभिधीयते ।"* - हें शरीर क्षेत्र पृथ्वी, आप, तेज, वायु आनी आकाश हीं पंच महातत्वं; अहंकार, बुद्धि, प्रकृति; पांच ज्ञानेन्द्रियं आनी पांच कर्मेन्द्रियं; मन; गंध, रस, रूप, स्पर्श, शब्द हे पांच विषयः इच्छा, द्वेष, सुख, दुःख, संघात, चेतना, आनी धारण शक्ति हे सात भावना हे सर्व मेळून क्षेत्र म्हण्णुं गीतेंतु (१३.६-७) संबोधन करचांतु आयल्यां. *"क्षेत्रज्ञं चापि मां विद्धि सर्वक्षेत्रेषु भारत ।"* सर्व क्षेत्रांतु क्षेत्रज्ञ तो साक्षात् परमात्मा आसा. तोचि शरीरांतु आसून जीवाक चैतन्य दिता.

*"क्षेत्रज्ञो भगवान् विष्णुः न ह्यन्यः क्षेत्रमंजसा । . . . स तु जीवेषु सर्वेषु बहिश्चैव व्यवस्थितः ॥ . . . सर्वत्र संस्थितत्वाद्वा सर्वतः पाणिपादवान् । सर्वेन्द्रियाणां विषयान् वेत्ति सोऽप्राकृतेन्द्रियः ।"* (श्री मध्वाचार्य - गीता तात्पर्य).

**(३५८). *भीमः* - कोणाक सर्व भियेताचि, तो.**

*"भयानाम् भयम् भीषणं भीषणानाम् ।"* भयाक तो भयंकर आसा. *"भीषास्माद्वातः पवते । भीषोदेति सूर्यः । भीषास्मादग्निश्चेन्द्रश्च । मृत्युर्धावति पंचम इति ॥"* (तैत्तिरीयोपनिषद) - भगवंताले भयान वारो फिरता, सूर्य उदेता, अग्नि, इन्द्र आप-आपण्याले कर्तव्यकर्म आनी यम आपण्याले कार्य करचाक तत्पर आसता.

**(३५९). *समयज्ञः* - जो सर्वांले अंतःकरणांतु समसमान सक्रिय आसता किंवा कोणाक समयाचि जाण आसा, तो.**

*"अक्षरं ब्रह्म परमं स्वभावोऽध्यात्ममुच्यते । भूतभावोद्भवकरो विसर्गः कर्मसंज्ञितः ।"* (गीता.८.३) जीवत्रजगत्‌चे निर्माणकार्य भगवंताले विशेष कर्म जावनुं आसा. सर्व जीवांतु समसमान तो अभिप्रेत आसल्यारियी तो तांग-तांगेले अधिकारानुसार अभिव्यक्त जावनुं तांका फल दिता.

समयज्ञ म्हळ्यार भगवंतालि सृष्टी विषय आसचि कर्तव्य बुद्धि. सर्व सामान्य जनमानसांतु भौतिक पातळी वयर जरी यज्ञाचि परिभाशा अग्निंतु मंत्रोच्चारान आहुति प्रदान करचें म्हण्णुं आसव तरी आध्यात्मिक दृष्टीन मनुष्यान स्वतःचे कर्म आनी कर्तुत्व समाजास्तातीर आहुती म्हण्णुं अर्पण करचें आसा. देवांनि केल्लिले यज्ञांतु स्वतःक हविरूपान अर्पण करनुं भगवंतान घालनुं दिल्लिलें उदाहरण जनांनी पालन करका.

"समयज्ञ म्हळ्यार कोणाक समयाचि ज्ञाण आसा तो. दर एक क्षणाचें महत्व जो जाणता तोचि समयावयरि प्रभुत्व सांगू शक्ता. भगवंत समयज्ञ आशिल्यान तो काळाचो स्वामी आनी काळातीत आसा. तोचि भूत, वर्तमान

आनि भविष्य जाणता. भगवंत वर्तमान काळचे दरएक क्षणांतु अणुरूपान अभिप्रेत आसा. वर्तमानकाळ सोंपलो कीं भूतकाळांतु समावेश जाता. भविष्यकाळ वास्तविक अजून संपुष्टांतु येवचो वर्तमान काळ आसा.

(३६०). *हविर्हरि:* - जो यज्ञांतु हविरूपान आसता, तो.

सृष्टींतु जें कांय आसा तें सर्व परमात्मालें स्वरूपचि आशिल्यान यज्ञ, यज्ञांतले कार्य आनी यज्ञांतु दिवचांतु येवचे हवि हीं सर्व परमात्मालि रूपं जावनुं आसाचि. *"ब्रह्मार्पणं ब्रह्महविर्ब्रह्माग्नौ ब्रह्मणा हुतं । ब्रह्मैव तेन गंतव्यं ब्रह्मकर्मसमाधिना ॥"* (गीता.४.२४) हे श्लोकावयर भाष्य करताना श्री मध्वाचार्य म्हणताचि *"सर्वं एतत् ब्रह्मेति उच्यते तदधीनसत्ताप्रतीतित्वात् । . . . ब्रह्मणो हवि: । ब्रह्मण: अग्नौ । ब्रह्मण: कर्मसमाधिना सह । समाधिरपि तदधीना इत्यर्थ: । एक: स्वतंत्रो भगवान् तदीयं त्वन्यदुच्यते ।"* (गीतातात्पर्य).

(३६१). *सर्वलक्षणलक्षण्य:* - जो सर्व लक्षणांनि परिपूर्ण आसा, तो.

सर्व गुणांनि परिपूर्ण आसून इन्द्रियांन ना समज पावचे परमात्माले ज्ञान स्वंयचे रीतीन मेळोवचें ? भगवंताले हे तेचें परात्पर स्वरूपाचि व्याख्या सत् चित् आनंद म्हण्णुं येवजिली आसा. *"निर्दोषपूर्णगुणविग्रह आत्मतंत्रो निश्चेतनात्मकशरीरगुण्यैश्च हीन: । आनंदमात्रकरपादमुखोदरादि: सर्वत्र च स्वगतभेदशावर्जितात्मा ॥ कालाश्च देशगुणतोऽस्य न चादिरंतो वृद्धिक्षयौ न तु परस्य सदातनस्य । नैतादृश: क्व च बभूव न चैव भाव्यो नास्त्युत्तर: किमु परात् परमस्य विष्णो: ॥"* - निर्दोष, पूर्णगुणस्वरूप, आत्मस्वतंत्र, चेतन जीवांले गुणांनि अबाधित, आनंदस्वरूप अवयवाचो, विविध रूपांतु आसूनयी अविभाज्य, काल-देश-गुणांक लागून कोणाक पयले किंवा अखेरिक वृद्धि किंवा क्षय ना, कोणाले समान अजून जाले नांचि, मुख्यार जावचे नांचि आनी आतांयी कोणियी नांचि तसले विष्णु परमात्मा पेक्षां जास्त श्रेष्ठ कोण आसूं शक्ताचि, म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य महाभारत तात्पर्य निर्णयांतु विचारताचि. देकून केवल तागेले गुणांवयर प्रकाश घालचे लक्षणांनि तागेलें स्वरूपाचें चिंतन आनी अवलोकन करचें पडता.

(३६२). *लक्ष्मीवान्* - जो शुभ लक्षणांचो आसा, किंवा कोण श्री लक्ष्मीसयत सदा आसता.

परमात्मा पवित्र आनी शुभ लक्षणांनि शोभता. तागेले ज्ञान तागेले स्वरूपाचे जाण घेतिल्यानचि मेळता.

भगवंत सदा लक्ष्मी सयत आशिल्यान तो लक्ष्मीवान् किंवा लक्ष्मीपति म्हणोवनुं घेता. लक्ष्मीतंत्रांतु श्री म्हणता, *"भवद्भावात्मकं ब्रह्म ततस्तच्छाश्वतं पदम् । भवन्नारायणो देवो भावो लक्ष्मीरहं परा ॥ लक्ष्मीनारायणस्यातमतो ब्रह्म सनातनम् । अहंतया समाक्रान्तो ह्यहमर्थ: प्रसिद्धति ॥"* भव आनी भावनेन ब्रह्म जोडिलो आसून ती तागेली स्वरूपचि आसा. नारायण साक्षात् भव आसून लक्ष्मी भावना आसा. हांतूतचि तागलें सनातन ब्रह्मस्वरूप लक्ष्मीनारायण म्हण्णुं प्रसिद्ध आसा.

(३६३). *समितिंजय* - जो सभेंतु केन्नांयी विजयी आसता, तो.

परमात्मा वाणीचो स्वामी आशिल्यान सभेंतु ताका कोणांपासूनयी ताका पराजय जावचें तशें ना.

***विक्षरो रोहितो मार्गो हेतुर्दामोदर: सह: ।***
***महीधरो महाभागो वेगवानमिताशन: ॥ ४० ॥***

(३६४). *विक्षर:* - कोण विशेष रीतीन अविनाशी आसा, तो.

*"द्वाविमौ पुरुषौ लोके क्षरश्चाक्षर एव च । क्षर: सर्वाणि भूतानि कूटस्थोऽक्षर उच्यते ॥ उत्तम: पुरुषस्त्वन्य: परमात्मेत्युदाहृत: । यो लोकत्रयमाविश्य बिभर्त्यव्यय ईश्वर: ॥ यस्मात्क्षरमतीतोऽहमक्षरादपि चोत्तम: । अतोऽस्मि लोके वेदे च प्रथित: पुरुषोत्तम: ॥"* (गीता.१५.१६-१८) - सर्व जीव-जगत् क्षर आसून ताका जन्म दिवचि प्रकृति अक्षर आसा. आनी हे क्षर-अक्षरांपेक्षां उत्तम श्री हरि आशिल्यान ताका पुरुषोत्तम म्हणचांतु येता. श्री मध्वाचार्यांले मतान

चतुर्मुखब्रह्मापासून सर्व जीवगण हे क्षर आसून केवल श्रीलक्ष्मी नित्यचेतनस्वरूप अक्षर आसा. आनी श्री विष्णु विशे रीतीन अक्षर, अविनाशी आसा.

**(३६५). *रोहितः* - कोणांलो रंग तांबूस आसा, तो.**

तांबूस रंग हो प्राण, तेज आनी सर्जनशीलतेचो प्रतीक आसा. सर्वांले अंतरात्मांतु प्राणस्वरूपान भगवंत आसू जीवांक ओज-तेजान प्रेरित करता.

**(३६६). *मार्गः* - जो आत्मोद्धाराचो रस्तो आसा, तो.**

सर्व संसारांतु परमात्माशिवाय विंगड कांयी नाशिल्यान आत्मोद्धारास्वातीर भगवंतूचि साध्य, साधन आनं सिद्ध जावनुं आसा. तरीयी मनुष्य आपण्याले स्वाभाविक - सत्व,रज,तम - गुणांनी प्रभावित आशिल्यान आत्मोद्धाराचे तागेले मार्गबी तांग-तांगेले स्वभावानुसार विंग-विंगड आसताचि. देकून भगवंतान स्पष्ट केलिलें आसा *"लोकेऽस्मिन् द्विविधा निष्ठा पुरा प्रोक्ता मयानघ । ज्ञानयोगेन साङ्ख्यानां कर्मयोगेन योगिनाम् ॥"* (गीता.३.३) देकून भगवंतान प्रवृत्ती आनी निवृत्ती मार्ग सांगले. परमात्माक साधचे मार्ग विंगड आसल्यारियी तंगे लक्ष्य एकचि आसा. साधना किंवा मार्ग वेगळे म्हण्णुं लक्ष्य सुद्धां वेग-वेगळे म्हणचे जंन अज्ञानि आसताचि. *"सांख्ययोगौ पृथग् बालाः प्रवदन्ति न पण्डिताः । एकमप्यस्थितः सम्यगुभयोविन्दते फलम् ॥ यत्सांख्यैः प्राप्यते स्थानं तद्योगैरपि गम्यते ।"* म्हण्णुं श्री कृष्ण गीतेंतु (५.४-५) स्पश्ट करता.

**(३६७). *हेतुः* - जो आदि कारण आनी अंतिम उद्देश जावनुं आसा, तो.**

*"प्रकृतिं पुरुषं चैव विद्ध्यनादी उभावपि । विकारांश्च गुणांश्चैव विद्धि प्रकृतिसंभवात् ॥ कार्यकारणकर्तृत्वे हेतुः प्रकृतिरुच्यते । पुरुषः सुखदुःखानां भोक्तृत्वे हेतुरुच्यते ॥"* - प्रकृति आनी पुरुष हे दोन्निंयी अनादि आसाचि, विकार आनी गुण प्रकृतिपासूनचि उत्पन्न जाताचि हें लक्षांतु दवरनुं, प्रकृती (लक्ष्मी) हीचि सर्व कार्यकारणांचे कारणस्वरूप आसून पुरुषचि (विष्णु) सर्व सुखदुःख भोगचो हेतु आसा हें जाणचाक जाय.

**(३६८). दामोदरः - जो शम-दमान जाणचांतु येता, तो.**

विष्णु जो संसाराचो हेतु आनी लक्ष्य आसा तो *"दमादिसाधनेन उदरा उत्कृष्टा मतिर्या तया गम्यत इति दामोदरः"* - दम इत्यादि साधनेन किंवा उत्कृष्ट मनान प्राप्त जाता म्हण्णुं दामोदर आसा. हे तरेन श्री शंकराचार्य स्पश्टीकरण दिताचि. *"दमाद्दामोदरं विदुः विभुः ।"* - इन्द्रियांक दमन केलिल्यान कोणांलें ज्ञान मेळ्ता तो दामोदर आसा. यशोदेन तागेले कंबरेक दोरी (दाम) बांदिल्यान ताका दामोदर म्हणताचि म्हण्णुं सर्वसाधायण व्याख्या आसा.

**(३६९). *सहः* - जो साधकांले चूको सहन करनुं तांका मार्गदर्शन करता, तो.**

भक्तांले वयले प्रेमाक लागून भगवंत चूको सहन करता. भगवंताले जिष्णु (विजेता), विष्णु (सर्वव्यापी) आनी सहिष्णु (सहनशील) हे तीन नांवांतु तागेलें भक्तांले मन जिंकचे, तांगेले अंतःकरण व्यापचें आनी तांगेली असहायता सहन करचे - हे तागेले हे नांवांतु स्पश्ट जाता. वास्तविक *"समोऽहं सर्वभूतेषु न मे द्वेष्योऽस्ति न प्रियः । ये भजन्ति तु मां भक्त्या मयि ते तेषु चाप्यहम् । . . ." तरियी आपण्याले भक्तांक त्रास जाव न्हंय म्हण्णुं तो धडपडता. "प्रतिजानीहि न मे भक्तः प्रणश्यति ।"* (९.२९). देकून *"सर्वधर्मान्परित्यज्य मामेकं शरणं व्रज । अहं त्वा सर्वपापेभ्यो मोक्षयिष्यामि मा शुचः ॥"* (१८.६६) म्हण्णुं आश्वासन दिता.

**(३७०). *महीधरः* - जो सर्व पृथ्वीचो धारक आसा, तो.**

हे पृथ्वीचें निर्माण केले नंतर ताजे धारण-पोशण कार्य परमात्माचि करता. *"हिरण्यगर्भः समवर्तताग्रे भूतस्य जातः पतिरेक आसीत् । स दाधार पृथिवीं द्यामुतेमां कस्मै देवाय विधेम ॥"* आनी *"यो नः पिता जनिता यो*

*विधाता धामानि वेद भुवनानि विश्वा । यो देवानां नामधा एक एव तं संप्रश्नं भुवना यन्त्यन्या ।।"* म्हण्णुं ऋग्वेदांतु (१०.१२१.३; १०.८२.३) सांगल्या.

**(३७१). *महाभागः* – जो अत्यंत भाग्यवान् आसा, तो.**

परमात्मालें व्यक्तिमत्व भौतिक दृष्टीन भाग्य आनी ऐश्वर्यवान आसा. अध्यात्मिक अर्थान तो परिपूर्ण आसा. *"मौलिं पदं पारमेष्ठ्यं सर्वलोक अभयंकरम् ।"*. तागेलीं कुण्डलं क्षराक्षरस्पाचिं रूपकं आसाचि - *"क्षरोत्तरम् प्रस्फुरन्तं कुण्डलं युगलं स्मृतम् ।"*. तागेले गळ्यांतली वनमाला सत्व-रज-तम गुणांचि माया आसा - *"स्वमायां वनमालाख्यां नानागुणमयी दधत् ।"*. कौस्तुभमणि तागेले आत्मज्योतरूपी चैतन्य आसा - *"कौस्तुभव्यपदेशेन स्वात्मज्योतिर्बिभर्त्यजः ।"*. श्रीवत्स ते कौस्तुभमणीचि प्रभा आसा - *"तत्प्रभा व्यापिनी साक्षात् श्रीवत्समुरसा विभुः ।"*. केयूर, बाजुबंध, तागेले विष्णुले पुरुषार्थ व्यक्त करताचि - *"धर्मार्थिकारकेयूरैः दिव्यैः दिव्यमयैरैतैः ।"*. हातांतले कमल विश्वाचें प्रतीक आसा - *"पद्मं विश्वं करे स्थितम् ।"*. तागेलें यज्ञोपवित प्रणवरूपी असा - *"ब्रह्मसूत्रं त्रिवृत् स्वरम् ।"*. आनी तागेलें पीतांबर वेद आसाचि - *"वासश्छन्दोमयं पीतम् ।"*. हे तरेन भगवंताले ऐश्वर्याचि वर्णन भागवत पुराणांतु केल्लिलें आसा.

**(३७२). *वेगवान्* – कोणाक मनान पकडचाक साध्य जायना, तो.**

*"अनेजदेकं मनसो जवियो नैनद्देवा आप्नुवन् पूर्वमर्षत् । तद्धावतोऽन्यान्नत्येति तिष्ठत्तस्मिन्नपो मातरिश्वा दधाति ।"* - मनापेक्षां वेगवान् म्हण्णुं ईशावास्योपनिषदांतु पमात्मालें वर्णन केल्यां. *"सम्यग् ज्ञातुमशक्यत्वात् अगम्यं तत्सुरैरपि ।"* - म्हण्णुं आचार्य भाष्य करताचि.

(३७३). *अमिताशनः* - जो सर्व कांय भक्षण करता, तो.

*"संहारसमये विश्वमश्नातीति अमितशनः"* - सर्व विश्व प्रलायकाळांतु तो भक्षण करता, म्हण्णुं श्री शंकराचार्य *अमिताशनः* शब्दाचि व्याख्या करताचि.

*उद्भवः क्षोभणो देवः श्रीगर्भः परमेश्वरः ।*
*करणं कारणं कर्ता विकर्ता गहनो गृहः ।। ४१ ।।.*

**(३७४). *उद्भवः* - जो सृष्टी निर्माण करता, तो.**

*'उत् + भव = उद्भव'* - प्रलयकालांतु भगवंताले उदरांतु अभिनिवृत्त जाशिलें जीव-जगत् जो परत निर्माण करता. वास्तविक जीव-जगत् अनादि आनी नित्य तत्व आशिल्यान तीं नाश जायनांचि. पुण भगवंताले चैतन्यस्वरूप योगमायेक लागून तें परत परत प्रतिबिम्बित जाता. देकून परमात्मा *उद्भवः* - जो अव्यक्त सृष्टीक परत व्यक्त स्वरूप दिता, तो.

**(३७५). *क्षोभणः* - जो विश्वनिर्मितीचे काळांतु क्षुब्ध वातावरण निर्माण करता, तो.**

अनंत सागरांतु विराजमान जाल्लिलो श्रीमन्नारायणान आपण्याले इच्छाशक्तीक स्फुरण दीवनुं त्रिगुणात्मक प्रकृतीक प्रक्षुब्ध करता. ताका लागून विश्व निर्माण कार्याक सुरवात जाता.

**(३७६). *देवः* - कोणांले निजस्वरूप दिव्य आनी तेजोमय आसता, तो.**

देव हो शब्द *दिव्* हे धातूवयल्यान निर्माण जाला. *दिव्* म्हळ्यार दीपचें, प्रकाशमान् जावचे. सत्व केन्नांयी शुद्ध सात्विक आशिल्यान ते सदाकाळ प्रकाश फैलायता. परमात्मालें तेज *"अनेकदिव्याभरणं दिव्यानेकोद्यतायुधाम् ।*

*दिव्यमाल्याम्वरधरं दिव्यगन्धानुलेपनम् । सर्वाश्चर्यमयं देवमनन्तं विश्वतोमुखम् ॥ दिवि सूर्यसहस्रस्यभवेद्युगपदुत्थित यदि भाः सदृशी सा स्याद्भासस्तस्य महात्मनः ॥"* म्हण्णं गीतेंतु (११.११-१२) वर्णन जाल्यां.

होचि परमात्मा आपण्याले तेज आनी प्रकशान जीव-जगत् प्रकाशित आनी प्रभावित करता.

**(३७७). *श्रीगर्भः* - विश्वनिर्माणाखातीर कोणाक श्री लक्ष्मी उत्पत्तीस्थान जावनं आसा, तो.**

*श्री* म्हळ्यार तेज - *अहंता*, आनी परमात्मां, जो *अहं* आसा, तो आपण्याले तेजाचे परिवर्तन करनं जीव-ज प्रवृत्त करता. श्री तेजाचि अभिमानी देवता लक्ष्मी आसून ते शब्दांतु धर्म, यश, ज्ञान, वैराग्यादि समावेश ज आसताचि.

*श्रीगर्भः* म्हळ्यार परमात्मालें विश्व निर्माण कार्यांतु जी गर्भ - जनन स्थान - जावनं आशिल्ली लक्ष्मी. उद *"ममयोनिमहद्ब्रह्म तस्मिन् गर्भं दधाम्यहम् ।"* (गीता.१४.३). भागवत पुराणांतु श्री लक्ष्मी हरीलि आत्मस्वरूप म सांगल्या - "अनपायिनी भगवती श्रीः साक्षादात्मनो हरिः ।".

**(३७८). *परमेश्वरः* - जो सर्वापेक्षां श्रेष्ठ ईश्वर, देवांलोबी देव आसा, तो.**

*"सर्वोत्तमो हरिरिदं तु तदाज्ञयैव चेतुं क्षमं स तु हरिः परम स्वतंत्रः । पूर्णाव्ययागणितनित्यगुणार्णवोऽसाव वेदवचनानि परोक्तयश्च ॥"* म्हण्णं श्री मध्वाचार्य श्री विष्णु सर्वोत्तम तत्व प्रतिपादन करताचि.

**(३७९). *करणम्* - जो सृष्टी निर्मितीक साधन जालो, तो.**

सृष्टी निर्माण जावचें पयलें परमात्मा शिवाय विंगड कांयी नाशिल्यान ते निर्माण खरचाक तो स्वतः ना जावनं आसा. चतुर्मुख ब्रह्मदेवान जेन्नां जग आनी प्रजेचें निर्माण करचे खातीर यज्ञ केलो तेन्नां ताका परब्रह्माशि विंगड साधन मेळे नां. देकून परमात्माले अंश घेवनूचि ताणें यज्ञ आनी सृष्टीचि सुरवात केली.

**(३८०). *कारणम्* - जो विश्वाचें उपादन आनी निमित्त जावनं आसा, तो.**

जे तरेन साधक सत्यशोधाचे मार्गावयर क्षणान् क्षण मुखार सरत आसताना तो अनुभवता कीं परमात्मा कारण आनी साधन न्हंय तर उपादन आनी निमित्त बी जावनं आसा.

**(३८१). *कर्ता* - जो सृष्टी सर्जन करता, तो.**

श्री विष्णु न केवल साधन, उपादन वा निमित्त तर तो सृष्टीचो कर्ता बी आसा. भगवंत स्वतंत्र आसून जगत् तागेले शक्तिवयर अवलंबून आसताचि. *"न प्राणेन नापानेन मर्त्यो जीवति कश्चन । इतरेण तु जी यस्मिन्नेतावुपाश्रितौ ॥"* (कठोपनिषद). *"न केवलं प्राण एव चेतनानां विधारकः । किंतु विष्णुं समाश्रित्य प्राणो वि भिभर्त्ययं अतो मुख्याश्रयो विष्णुः चेतनानां स्वतंत्रतः ॥"* जीवांक प्राण प्रेरित करतनासताना भगवताले आज्ञा जीवांक प्रेरित करता म्हण्णं श्री मध्वाचार्य सांगताचि.

**(३८२). *विकर्ता* - जो कर्म केलिल्यान कर्माचे परिणामान बन्धित ना, तो.**

कर्माचे तीन प्रकार आसाचि - कर्म, अकर्म आनी विकर्म. ऋत आनी धर्म नियमांक लागून करचें कर्मांक म्हणताचि. जें कर्म ऋत-धर्माचे नियमांक लागून करचांतु येना, तें अकर्म आसा. जें कर्म ऋत-धर्मांक निषिद्ध आस विकर्म आसा.

परमात्मा विश्वाचो कर्ता आनी कारण आसूनदि तो ऋत-धर्मांचे बन्धनांतल्यान मुक्त आसा. देकून तागेले कडचान निषिद्ध असलिं कर्म जायनांचि. *"न मां कर्माणि लिम्पन्ति न मे कर्मफले स्पृहा । इति मां योऽभिजानाति कर्मभिर्न स बध्यते ।।"* (गीता.४.१४).

वास्तविक सर्व कर्म भगवंताले प्रवृत्तीक लागूनचि संपुष्टांतु येत आशिल्यान *"विष्णोरेव कर्म नाहं चित् प्रतिबिम्बः किंचित् करोमि . . . अकर्मणि सुप्त्यादौ अकरणावस्थायां परमेश्वरस्य कर्म यः पश्यति अयमेव परमेश्वरः सर्वदा सर्वसृष्ट्यादि करोति इति सः बुद्धिमान् ज्ञानी ।"*.

**(३८३). *गहनः* - कोणांले सर्व कार्य रहस्य, गूढ आसा, तो.**
**(३८४). *गुहः* - जो संसारांतु गुप्तरीतीन वावुरता, तो.**

बृहदारण्यकोपनिषदेंतु एक संदर्भ आसा जेन्नां जारत्कार आर्तभाग याज्ञवल्क्य ऋषीक विचारता - मनुष्य मरण आयले नंतर तागेले उत्रांतली, प्राणांतली, दोळ्यांतली, मनांतली, कानांतली, शरीरांतले अभिमानी देव आप-आपण्याले अधिदैविक रूप धारण करनुं जेन्नां शरीर त्याग करताचि तेन्नां तागेलो जीव स्वंय उरता ? याज्ञवल्क्य आर्तभागालो हात धरनुं सांगता *"अवामेवैतस्य वेदिष्यावः न नावेत् तत् स जन । तौ होत्कर्म्य मंत्रयां चक्राते । . . . कर्म हैव तदूचतुः . . . कर्म हैव प्रशशंसतुः । पुण्यो वै पुण्येन कर्मणा भवति पापः पापेन ।"* - आर्तभाग, आमी दोग्गींचि हें रहस्यावयर आलोचना करयां. कारण अयोग्य जनं तें समजू शकनांचि . . . तेन्नां ते कर्मफलदाता परमात्माविषय उलयले. . . तार्णी ते कर्मफलदाता परमात्मालि प्रशंसा केलि . . . पुण्य केल्यार पुण्यकर्माचे नियामक जावनुं आशिले परमात्माले अनुग्रहान तो पुण्यपद मेळयतालो; पाप केल्यार पापकर्माचे नियामक जावनुं आशिले परमात्माले अनुग्रहाक लागून पापपद मेळयतालो.

*"कर्मनामा तु भगवान् फलकर्तृत्वतो हरिः । पातनात् पापनामासौ पुनातेः पुण्यनामनाम् ।।"* - श्री हरि कर्मफल दीत आशिल्यान कर्म म्हणोवनुं घेता म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य स्पश्टायताचि.

*व्यवसायो व्यवस्थानः संस्थानः स्थानदो धृवः ।*
*परर्द्धिः परमस्पष्टस्तुष्टः पुष्टः शुभेक्षणः ।। ४२ ।।*

**(३८५). *व्यवसायः* - कोण निश्चित संकल्पाचो आसा, तो.**

विश्वाचे निर्माण भगवंताले निश्चित संकल्पाक लागून जालें आनी देकून ऋत आनी धर्म नियमांचो परिपाठबी घालनुं दिलो. हे ऋत-धर्म नियमं तागेले नित्य, अटल, अढळ आनी निश्चित सरूपाचो संकल्प दर्शायता. संकल्प करचे पुरुषांतु आनी संकल्पांतु फरक नाशिल्यान परमात्मालो संकल्पूचि जीव-जगत् रूपान अभिप्रेत जाला. गीतेंतु श्री कृष्ण आपूण 'व्यवसायोऽस्मि' म्हण्णुं सांगता.

**(३८६). *व्यवस्थानः* - कोणें निश्चित संकल्पाक लागून विश्वाचि व्यवस्था जाल्या, तो.**

निश्चित संकल्प आशिलो पुरुषचि आपण्याले कार्य कौशल्य व्यवस्थित, सतत आनी सदाकाळ प्रभावित आसूं म्हण्णुं जागरूक आसता. जेन्नां संकल्पावयर अवकळा येता, तेन्नां ऋताचि अवहेलना जाल्यार तत्काल शिक्षा दिवचाक आनी अज्ञानाक लागून धर्माचे आचरणेंतु असमर्थता आसल्यार तो धर्म परत सुस्थितींतु स्थापन करचाक परमात्मा अवतार घेवचाक तत्पर आसता.

श्री शंकराचार्यांनि हे नांवावयर भाष्य करताना सांगल्यां लोकपालादयाधिकारजरायुजाण्डजसेदजोज्जिद्ब्राह्मणक्षत्रियवैश्यशूद्रावान्तरवर्णब्रह्माचर्यगार्हस्थ्यवानप्रस्थसंन्यासलक्षणाश्रमतद्धर्माधंदिकान् विभाज्य करोतीति व्यवस्थानः ।" - विंगविंगड लोकाचे अभिमानी देवतेंक, अंड, स्वेत आनी धर्तरेतल्यान उत्पन्न आयिल्यांक, ब्राह्मण-क्षत्रिय-वैश्य-शूद्रांक, ब्रह्मचर्य-गृहस्थ-वानप्रस्थ-संन्यास आश्रमांतले जनांक तांग-तांगेले कार्य विभाजन आनी नियंत्रित दवरचेंचि *व्यवस्थान* जावनुं आसा.

(३८७). *संस्थानः* - जो जीव-जगत्‌चो अंतिम आश्रयस्थान आसा, तो.

सर्व विश्वाचें आश्रय स्थान अखेरीक परमात्माचि जावनुं आसा. *"मयि सर्वमिदं प्रोतं सूत्रे मणिगणा इव ।"* (७.७) *"वासुदेवः सर्वमिति स महात्मा दुर्लभः ।"* (७.१९). *"तमेव शरणं गच्छ सर्वभावेन भारत । तत्प्रसादात्परां शान्तिं स्थानं प्राप्स्यसि शाश्वतम् ॥"* (१८.६२) - म्हण्णुं गीतेंतु भगवंतान परत परत आश्वासन दीवनुं आपूण अंतिम लक्ष्य आसा, हाजें निदर्शन दिल्यां.

(३८८). *स्थानदः* - जो शाश्वत स्थान प्रदान करता, तो.

स्वर्ग आनी नरक म्हळ्ळार आमगेले पासून दूर आसचो एक प्रदेश न्हंय; भगवंतान दिवचें मोक्ष म्हळ्ळार बांदून दवरिली पोटली न्हंय. स्वर्ग, नरक आनी मोक्ष सर्व जीवांक तांगेले कर्म आनी योग्यतेनुसार हांगाचि मेळ्ता. जेन्नां विष्णु स्वतंत्र आनी सर्वोत्तम, जीव-जगत् अस्वतंत्र आनी परमात्माक आधीन हें सत्वस्म समजचांतु येता तेन्नाचि ताका आपण्याले निजस्वरूपाचि ज्ञाण मेळिल्यान स्वर्ग आनी मोक्ष मेळ्ता. *'मुक्तिर्नैजसुखानुभूति'* - आपण्याले निज स्वरूप अनुभवाचें हेंचि मोक्ष जावनुं आसा. जेन्नां अज्ञानाक लागून मनुष्य आपूणचि कर्ता करविता म्हण्णुं समजता तेन्नां ताका नरक हांगाचि भोगचें पडता. भगवंतालें विस्मरण हेंचि तागेलें मरण आनी नरका दिकान व्हरचि पयलि पायरी.

(३८९). *धृवः* - जो नित्य, स्थिर, अचल आनी अढळ आसा, तो.

परमात्माले वैकुंठसुखाचो स्रोत क्षणिक नासताना आनी निरंतर अव्याहत व्हांवत आसता. ते सुखाचो परमानंद मनुष्याक तागेले योग्यतानुसार मेळ्ता. *"भक्त्या मामभिजानाति यावान् यश्चास्मि तत्वतः । ततो मां तत्वतो ज्ञात्वा विषते तदनंतरं ॥"* म्हण्णुं गीतेंतु (१८.५५) सांगल्यां. *"विमुच्य निर्ममः शांतो नैष्कर्म्यसिद्धिं प्राप्तो भूत्वा ब्रह्मणि भूयाय भवतित्यर्थः ॥"* (गीता तात्पर्य) म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य स्पश्टीकरण दिताचि.

(३९०). *परर्धिः* - कोणाल्यांतु परतत्व अभिव्यक्त आसा, तो.

*"त्वमक्षरं परमं वेदितव्यं त्वमस्य विश्वस्य परं निधानम् । त्वमव्ययः शाश्वतधर्मगोप्ता सनातनस्त्वं पुरुषो मतो मे ॥"* (गीता ११.१८) - तूं जाणचाक योग्य, अविनाशी परम श्रेष्ठ तत्व आसून विश्वाचो अखेरचो आधार, शाश्वत धर्माचो अविनाशी संरक्षक आनी सनातन पुरुष आसा म्हण्णुं अर्जुन उद्गार काडता.

(३९१). *परमस्पष्टः* - जो अपरोक्ष ज्ञानींपासून स्पष्ट रीतीन जाणचांतु येता, तो.

भगांताले अपरोक्ष ज्ञान आनी दर्शन जालिले साधकाले अंतःकरणांतले सर्व संशय दूर जावनुं थंय सनातन प्रकाशाचो उदय जाता. *"भिद्यते हृदयग्रंथिः छिद्यन्ते सर्वसंशयाः । क्षीयन्ते चास्य कर्माणि तस्मिन् दृष्टे परावरे ॥"* (मुण्डकोपनिषद). वेदांतलो ऋषी उद्गार काडता - *"वेदाहम् एतं पुरुषं महान्तम् आदित्यवर्णं तमसः परस्तात् । तम् एव विदित्याति मृत्युम् एति नान्यः पन्था विद्यतेऽयनाय ॥"* (यजुर्वेद.३१.१८).

(३९२). *तुष्टः* - जो नित्य तृप्त आसा, तो.

संसारांतल्यान परमात्माक केन्नांयी आनी कांयी मेळ्रेवचें ना. *"न मे पार्थास्ति कर्तव्यं त्रिषु लोकेषु किञ्चन । नानावाप्तमवाप्तव्यं वर्त एव च कर्मणि ॥"* (गीता३.२२). तो आप्तकाम, पूर्णकाम आनी संतुष्ट आशिल्यान तागेले सर्व कार्य स्वयं-स्फूर्तीन सृजन पावतचि. *"मत्तो नृत्तादिकं यद्वत् कुर्यात् सुखविशेषतः । परमानंदरूपत्वात् कुर्याद् विष्णुः तथैव तु ।"* - अत्यंत संतोषान उन्मत्त जालिलो मनुष्य जे तरेन नाचता ते तरेन परमानंदस्वरूप विष्णु कार्य करता शिवाय तागेली अपूर्ण इच्छा पूर्ण करचे खातीर न्हंय. (श्री मध्वाचार्य - गीता तात्पर्य)

(३९३). *पुष्टः* - जो आत्मपूर्ण आनी प्रसन्न आसा, तो.

जे तरेन परमात्मा नित्यतृप्त आसा ते तरेन तो आत्मप्रसन्न आसा. तागेले प्रसन्नतेचें निदर्शन आमकां निसर्गांतु सळसळचे सु-जलांतु, फल-फुलांतु, मलयांवयल्यान येवचे शीतल वायांतु, फांतोडेचे अरुणोदयांतु, आकाशांतु भरगच्छ भरिले नक्षत्रांतु, दर एक रंगांतु आनी सुगंधांतु अभिप्रेत जाता. स्वरेंचि तो सदा पुष्ट आसता.

### (३९४). *शुभेक्षणः* - कोणांली दृष्टि शुभ कामनेन परिपूर्ण आसता, तो.

भगवंताली दृष्टि मंगलमयी, आनंददायी, कारुण्यमयी आनी मोक्षदायी आसता. भक्तांले प्रति प्रीत आशिल्यान तांगेले विशय करुणा उपजता जी भक्तांक मोक्ष दीवनुं तांगेलीं संसारांतलि सर्व बंधनं सुटयता. तो *करुणारविन्द* आसा.

*रामो विरामो विरतो मार्गो नेमो नयोऽनयः ।*
*वीरः शक्तिमतां श्रेष्ठो धर्मो धर्मविदुत्तमः ॥ ४३ ॥*

### (३९५). *रामः* - जो आनंदरूपी आसा, तो.

श्री मध्वाचार्यांनि गीताभाष्यांतु राम नांवाचि व्यारव्या *"आनंदरूपत्वत्तात् पूर्णत्वात् लोकरमणत्वत्ताच् रामः ।"* - आनंदरूप, पूर्ण आनी भक्तांली इच्छा पुरयताशिल्यान तो राम म्हण्णुं केल्या. *"रमन्ते योगिनोऽनन्ते नित्यानन्दे चिदात्मनि । इति रामपदेनैतत्परं ब्रह्माभिधीयते ॥"* म्हण्णुं पद्मपुराणांतु सांगल्यां.

वाल्मीकी रामायणांतु श्रीरामालें वर्णन *"प्रजापतिसमं श्रीमान् धाता रिपुनिषूदनः । रक्षिता जीवलोकस्य धर्मस्य परिरक्षिता ॥ स च सर्वगुणोपेतः कौसल्यानंदवर्धनः । समुद्र इव गाम्भिर्ये धैर्येण हिमवानिव ॥ विष्णुना सदृषो वीर्य सोमवत् प्रियदर्शनः ॥"* म्हण्णुं केल्या. सर्वगुणसंपन्न श्री विष्णूक *रमारमण* म्हण्णुं संबोधन करचांतु येता.

### (३९६). *विरामः* - जो भकांत्क आश्रयस्थान जावनुं आसा, तो.

विश्वाचें प्रलय आनी नवी सृष्टी निर्माण जावचें मध्यांतरांतु परमात्मा जीव-जगत्चो आश्रय जावनुं आसता. "एवं च सर्वजीवेभ्यः सदा सर्वगुणाधिकः । मुक्तोऽपि सर्व मुक्तानामधिपत्ये स्थितः सदा । आश्रयस्तस्य भगवान् सदा नारायणः प्रभुः ॥" (श्री मध्वाचार्य - महाभारत तात्पर्य निर्णय)

### (३९७). *विरतः* - जो आसक्ति नासताना आसा, तो.

विश्व निर्माण करताना परमात्माक स्वंयचेयी विषयाचि आसक्ति नाशिलि. स्वतः नित्य-तृप्त आशिल्यान विश्व प्रलय आनी पुनर्निर्माण जावचें मदले काळांतु जीव-जगताक आपण्याले उदरांतु आश्रय दीवनुं योगनिद्रेंतु आसता.

### (३९८). *मार्गः* - जो साधकांले साधनेचो पथदर्शक आसा, तो.

जरी परमात्मा केवल एकमात्र लक्ष्य आसल्यारियी तागेले ज्ञानास्वातीर अनेक मार्ग आसाचि. देकून एक मार्ग मात्र निश्चत आसून विंगड सर्व मार्ग अनिश्चित आनी भयानक आसाचि म्हण्णुं मानचें अनुचित आसा. वास्तविक गीतेंतु परमात्मानचि सांगिल्ले आसा कीं *"त्रिविधा भवति श्रद्धा देहिनां सा स्वभावजा । सात्विकी राजसी चैव तामसी चेति तां शृणु ॥ सत्वानुरूपा सर्वस्य श्रद्धा भवति भारत । श्रद्धामयोऽयं पुरुषो यच्छ्रद्धः स एव सः ॥"* (१७.२-३). *"यो यो यां यां तनुं भक्तः श्रद्धार्चितुमिच्छति । तस्य तस्याचलां श्रद्धां तामेव विदधाम्यहम् ॥"* (७.२१). *"ये यथा मां प्रपद्यन्ते तांस्तथैव भजाम्यहम् ।"* (४.११). *"लोकेऽस्मिन् द्विविधा निष्ठा पुरा प्रोक्ता मयानघ । ज्ञानयोगेन सांख्यानां कर्मयोगेन योगिनाम् ॥"* (३.३).

### (३९९). *नेयः* - कोण जीवाक अंतिम लक्ष्यादिकान व्हरता, तो.
### (४००). *नयः* - कोण आपण्याले प्रति जीवाक आकर्शित करता, तो.

(४०१). अनयः - कोणाक विंगड कोणियीं व्हरु शकनांचि.

जीव नित्य आनी परमात्मापासून भिन्न आसल्यारियी तो स्वतःचे सामर्थ्यावयर स्वंयियी वचू शकना. तो स्वतः आशिल्यान सर्वांक आकर्शित करता. तो अ-स्वतंत्र आशिल्यान परमात्माले आधीन आनी तागेले कृपादृष्टीनचि प्रभावि जाता. परयात्याचि ताका अंतिम श्रेय प्राप्त करनुं दिवूं शक्ता.

*"श्रवणं मननं चैव ध्यानं भक्तिस्तथा दृशिः । ज्ञानं चोक्तविशेषाणां सर्वेषां साधनं भवेत् । त्यक्त्वैतानि कस्यापि भवेन्मोक्षः कदाचन । सर्वोत्तमतया ज्ञानपूर्वकः स्नेह एव तु । भक्तिर्विष्णौ समुद्दिष्टा तदन्येषां तु योग्यतः । विष्णुभक्तिर्देवभक्तिर्गुरौ भक्तिस्तथैव च । तत्तत् श्रेष्ठ्यानुसारेण मुक्तौ नियतसाधनम् । भक्तिपूर्तौ भवेन्मुक्तिः तदभावे न नो भवेत् । भक्तिर्ज्ञानं तथा ध्यानं मुक्तानामपि सर्वशः । नियमेन न हीयन्ते मुक्तानां ते स्वरूपकाः । साधनानि तु सर्वाणि भक्तिज्ञानप्रवृद्धये । नैवान्यसाधनं भक्तिः फलरूपा हि सा यतः ।"* श्रवण, मनन, ध्यान, भक्ति, ज्ञान आनी अपरोक्षदर्शन ही साधकांक मोक्षाचि साधनं आसाचि. ज्ञानपुर्वक विष्णुसर्वोत्तमत्व जाणिल्यान तागेले विषय आकर्षित जावचाक भक्ति म्हणताचि म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य सांगताचि.

(४०२). *वीरः* - जो पराक्रमी आसा, तो.

सृष्टी तीन गुणांनि (सत्व-रज-तम), तीन काळांतु (भूत-वर्तमान-भविष्य), तीन अवस्थेंतु (जागृत-स्वप्न-सुषुप्ति) आनी तीन पुरुषांतु (क्षर-अक्षर-पुरुषोत्तम) अभिव्यक्त जाल्लिी आसून ते सर्वांवयर परमात्मालें प्रभुत्व आसता शिवाय इतरांलें न्हंय. देकून परामात्माचि सर्वापेक्षां पराक्रमी आसा.

(४०३). *शक्तिमतां श्रेष्ठः* - जो सर्व शक्तिशालींतु श्रेष्ठ आसा, तो.

*"बलं बलवतां अस्मि कामरागवर्जितम् ।" (गीता).* श्वेताश्वतरोपनिषद (६.७-८) सांगता - *"तमीश्वराणां परमं महेश्वरम् तं देवतानां परमं च दैवतम् । पतिं पतीनां परमं परस्तात् विदाम देवं भुवनेशाम् ईड्यम् ।। न तस्य कार्यं करणं च विद्यते न तत्समश्चाभ्यधिकश्च दृश्यते । पराऽस्य शक्तिर्विविधैव श्रूयते स्वाभाविकी ज्ञानबलक्रिया ।।"* - सर्व नियामकांलो नियामक, सर्व देवांलो परम देवता, सर्व श्रेष्ठांलो श्रेष्ठ, स्वयं प्रकाशित आसून सर्व भुवनांचो स्वामींक आमी जाणचाक जाय. तांका कार्य ना कारण ना, तागेले पेक्षां श्रेष्ठ दुसरे कोणी दिसून येना.

(४०४). *धर्मः* - कोण सनातन नियमं घालनुं तांचे धारण करता, तो.
(४०५). *धर्मविदुत्तमः* - कोण धर्म जाणतल्यांतु श्रेष्ठ आसा, तो.

सृष्टी निर्माण आनी स्थितीखातीर जरूर आसचे सनातन धर्माचे पूर्ण ज्ञान परमात्माक आसा. धर्माचे अंतरंग आशिल्यान तो धर्मस्वरूप आनी धर्मज्ञानी आसा.

*वैकुंठः पुरुषः प्राणः प्रणदः प्रणवः पृथुः ।*
*हिरण्यगर्भः शत्रुघ्नो व्याप्तो वायुरधोक्षजः ।। ४४ ।।*

(४०६). *वैकुंठः* - कोणाक कसलेंयी वक्रता किंवा अवरोध ना, तो.

वैकुंठ शब्दाचि व्याख्या *"विगताः कुण्ठाः यस्य स विकुण्ठो, विकुण्ठ उव वैकुण्ठः ।"* भगवंताले शुद्ध आत्मस्वरूपावयर कसलेंयी तरेचें आवरण, अवरोध किंवा बंधन ना. जे तरेन सावळी वांकडी दिसता म्हण्णुं मनुष्य वांकडो आसना ते तरेन सृष्टी (प्रतिबिम्ब) वक्रता दिसता म्हण्णुं परमात्म (बिम्ब) वांकडो आसना. तागेले वयर कसलेंयी आवरण, बन्धन किंवा अवरोध येना. तो इच्छाशक्तिन पूर्णकाम, ज्ञानशक्तिन सर्वज्ञ आनी क्रियाशक्तिन सर्वविजयी

आसा. जो मनुष्य विष्णुलें इच्छाशक्तिचें, ज्ञानशक्तिचें आनी क्रियाशक्तिचें ज्ञान संपादन करता तोचि श्री विष्णुलें उपासना मार्ग, स्वरूप, विष्णुलें धाम एकत्रित जालिलें परमपद - वैकुंठ प्राप्त करता.

(४०७). *पुरुषः* - **जो सृष्टींतलो चैतन्य शक्ति आसा, तो.**

वैकुंठ नांवानंतर परत पुरुष नांव येवचें महत्वाचें आसा. श्री विष्णुलें परम पद विंगड स्वंयीयि नासताना दर एक जीवाले अंतरंगांतु आसा. देकून भगवंताक मेळच्याक जंगलांतु डोंगरारि वच्चें जरूर ना; मनुष्यान अंतर्मुख जावनुं आपण्यालें अंतरंगांतु तागेलो शोध घेवचें आवश्यक आसा. परमात्माक पुरुष म्हणचांतु येता, कारण तो पुर - एक विशिष्ट प्रदेशांतु वास्तव्य करनुं आसा. *"अथ यदिदमस्मिन् ब्रह्मपुरे दहरं पुण्डरीकं वेश्म । दहरोऽस्मिन्नंतराकाश । तस्मिन् यदन्तः तदन्वेष्टव्यं । तद्वाव विजिज्ञासितव्यं ।"* - शरीराचे अंतरंग व्यापून पूर्णगुण आनी पूर्णकाम आशिले परमात्मालो शोध घेवका म्हण्णुं छांदोग्योपनिषदांतु सांगल्या.

श्री मध्वाचार्य ब्रह्मपुर शब्द परब्रह्माक लागून पूर्ण आशिलें शरीरं म्हण्णुं सांगताचि. *"यद्वैतत् ब्रह्मेतीदं वाव तद्योऽयं बहिर्धा पुरुषादाकाशः । यस्तु सर्वाणि भूतान्यात्मन्येवानुपश्यति इत्यादिना परब्रह्मण्यैव च हृदयं स्थितं ।"* - जीवाले शरीरांतु प्रकाशित करचो सर्वव्यापी आकाश म्हळ्यार साक्षात् ब्रह्म आसा. सर्व जीवांक आश्रय दीत परमात्मा हृदयांतु निवास करता.

(४०८). *प्राणः* - **जो सर्व जीवांग चैतन्य प्रदान करता, तो.**

तैत्तिरीय उपनिषदेंतु *"प्राणो ब्रह्मेति व्यजनात् । प्राणाद्ध्येव खल्विमानि भूतानि जायन्ते । प्राणेन जातानि जीवन्ति । प्राणं प्रयंत्यभिसंविशंतीति । तद्विज्ञाय ।"* प्राण परमात्माचि म्हण्णुं जाणनुं ताका लागूनचि जीवगणं जन्माक येताचि, जीवताचि आनी विनाश पावताचि म्हण्णुं जाणचाक जाय म्हळ्यां.

(४०९). *प्राणदः* - **जो चैतन्य प्रदान करता, तो.**

जो स्वतः परमात्माक लागून चैतन्यमय आसा तोचि दुसऱ्यांक चैतन्य दिवू शक्ता. परमात्मालि प्राणरूपी शक्ति ब्रह्माण्डांतले विकासाक प्रगतशील करता. जर ही शक्ति क्षीण जाता तर जीवाले जीवनांतु आतंक येताचि. देकून परमात्माले हे संजीवन शक्तीचि उपासना करका.

(४१०). *प्रणवः* - **जो ॐकार स्वरूप आसा, तो.**

परमात्मालि संजीवन शक्ति पूर्णरीतीन प्रणवांतु एकत्रित जालिली आसा. *"ॐ इति ब्रह्म । ॐ इति इदम् सर्वम्"* हे तरेन ॐकारान विश्व ओतप्रोत पसरिलें जाणचाक जाय. जे जन ॐकार आनी परमात्मांतलो अतूट संबंध जाणताचि तेचि श्री विष्णुलें परमपद प्राप्त करताचि. *"यद्योगिनः सदोयुक्ताः पुणायपापक्षयेऽक्षयम् । पश्यन्ति प्रणवे चिन्त्यं तद्विष्णोः परमं पदम् ॥"*

(४११). *पृथुः* - **कोणांलें अस्तित्व विशाल आनी विस्तृत आसा, तो.**

*"प्रपञ्च रूपेण विस्तृत्वतात् पृथुः"* - श्री विष्णु प्रपंचरूपान विस्तारित जालिल्यान ताका पृथु म्हणताचि म्हण्णुं श्री शंकराचार्य भाष्य करताचि. "उरु पृथुः सुमूर्भुवः इति त्वोपास्महे वयम् ।" - सर्वश्रेष्ठ, व्यापक, सुंदर धर्तरी आनी आकाशाचे रूपान अथर्ववेदांतु प्रार्थना करचांतु येता.

(४१२). *हिरण्यगर्भः* - **कोणालें गर्भ भांगरातरेन प्रकाशिता, तो.**

हिरण्य - भांगर भग, भगवंताले प्रतीक म्हण्णुं वापरचांतु येता. सूर्या तरेन प्रकाशचें आनी भांगरातरेन शोभचे गर्भांतु तागेलें अव्यक्त स्वरूपाचे पयलें दर्शन जाता. मागीर तो आपणायले तेज आनी ओज सर्व विश्वांतु ओतप्रोत

पसरावनुं पुरुष म्हण्णुं ओळखुवचांतु येता. "हिरण्यं हिरण्यगर्भसंभूतिकारणं हिरण्मयमण्डं यद्विर्यसंभूतं तदस्य गर्भ इति हिरण्यगर्भः" - श्री शंकराचार्य.

हिरण्यगर्भांतल्यान स्वंयचे रीतीन सृष्टी निर्माण जाली आनी ते सर्वांतु परमात्म तत्व स्वंयचे रीतीन व्याप्त आसा, तें भागवत पुराणांतु वर्णन जाल्या. *"हिरण्मयः स पुरुषः सहस्रपरिवत्सरान् । आण्डकोश उवासाप्सु सर्वसत्वोपबृंहितः ॥ स वै विश्वसृजां गर्भो देवकर्मात्मनाऽऽत्मनमेकधा दशधा त्रिधा ॥ एष ह्यशेषसत्वानामात्मांशः परमात्मनः । आद्योऽवतारो यत्रासौ भूतग्रामो विभाव्यते ॥ साध्यात्मः साधिदैवश्च साधिभूत इति त्रिधा । विराट् प्राणो दशविध एकधा हृदयेन च ॥"* - भांगरातरेन तेजस्वी पुरुष पयलें समस्त जीवगणांक स्वतःचे उदरांतु आश्रय दीवनुं ब्रह्माण्डांतु प्रकाशाचे प्रवाहरूपान आशिलो. विश्वाचें निर्माण जाले नंतर ताणें आपण्यालें विराट तेज - ज्ञानशक्ति, क्रियाशक्ति आनी भोक्तृत्वशक्ति - एक रूपान, धा रूपान आनी तीन रूपान विभाजन केलि. तोचि सर्वांलो आत्मरूप आसून तागेलोचि अंश सर्व जीवांतु आसता. स्वतःचे आत्मशक्तिन अधिभूत-अध्यात्म-अधिदैविक हे तीन रूपांतु, दशावताराचे धा रूपांतु आनी सर्वात्मा हे एक रूपांतु तो अभिप्रेत जाता.

### (४१३). *शत्रुघ्नः* - जो शत्रूंक नाश करता, तो.

श्री विष्णुलिं सहस्रनांवांचे परिशीलन केल्यार ध्यानांतु येता की हीं सर्व नांवं प्रकाशाचि आनी ज्ञानचि प्रतीकं जावनुं आसाचि. देकून शत्रु जर कोणी आसल्यार ते विंगड कोणियीं नासताना अध्यात्म जीवनांतु अडथळे आनी मनावयर अज्ञानाचे आवरण घालचे मद-मत्सारादि षड्विकार आसाचि. मायेचे आवरण चैतन्यसरूपी आत्मावयर पडले कीं मनुष्यालें मन भांबावता आनी तो संसार-बंधनांतु अडक्ता. देकून भगवंत अर्जुनाक गीतेंतु सचेत करता *"काम एष क्रोध एष रजोगुणसमुद्भवः । महाशनो महापाप्मा विद्ध्येनमिह वैरिणम् ॥"* (३.३७) आनी *"एवं बुध्येः परं बुद्ध्वा संस्तभ्यात्मानमात्मना । जहि शत्रुं महाबाहो कामरूपं दुरासदम् ॥"* (३.४३). आनी मनुष्याले इन्द्रियं, मन आनी बुद्धिवयर भगवंतालो अनुग्रह जालो कीं तागेले चंचल मन नश्ट जावनुं इन्द्रियं अंतर्मुख, मन निश्चल आनी बुद्धि निर्मल जाता.

श्री राम आश्वासन दिता *"सकृदेव प्रपन्नाय तवास्मि इति याचते । अभयं सर्व भूतेभ्यो ददामि एतद् व्रतं मम ॥"* एकपटें जरी मनुष्य आपूण परामात्माक शरण वतां म्हण्णुं सांगता तर ते जीवाक तो अभय प्रदान करता.

### (४१४). *व्याप्तः* - जो विशेष रीतीन भक्तांलो आप्त, हितचिंतक आसा, तो.

आप्त म्हळ्यार मित्र. सर्व प्राणिजीवांतले अंतरंगांतु निवास करनुं परमात्मा भक्तांले सत्प्रवृत्तींक प्रेरित करनुं तागेले शत्रूंक नाश करता. व्याप्त म्हळ्यार *वि + आप्त = व्याप्त.* परमात्मापेक्षां जास्त आप्त आनी हितचिंतक कोण आसू शक्ताचि ? देकून अर्जुन श्री कृष्णाक सांगता *"पितेव पुत्रस्य सखेव सख्युः प्रियः प्रियायार्हसि देव सोढुम् ॥"* (गीता. ११.४४).

### (४१५). *वायुः* - जो प्रवाहरूपान जीवांक प्रेरित करता, तो.

परमात्मा वायु मुखांतर आपण्यालि शक्ति प्रभावित करता. 'कोण सर्वांतर्यामी आसा' म्हण्णुं उषस्त चाक्रामणान विचारिले प्रश्नाक याज्ञवल्क्य ऋषी उत्तर दिता : *"यः प्राणेन प्राणिति स ते सर्वांतरः । योऽपानेनापानिति स ते आत्मा सर्वांतरः । यो व्यानेन व्यानिति स ते आत्मा सर्वंतरः । य उदानेनोदानिति स ते आत्मा सर्वांतरः । एष ते आत्मा सर्वांतः ।"* - प्राण, अपान, व्यान, उदान आनी समान हे पंचप्राणांचे मुखांतर सर्व क्रियेंचे जो नियमन करता तोचि सर्वांतर्यामि परमात्मा आसा.

### (४१६). *अधोक्षजः* - कोणांलि दृष्टी कृपालू आसता, तो.

परमात्मा आपण्याले कृपादृष्टीन भक्तांक अभय, मुक्ति आनी आनंद दीवनुं तांगेले जीवन कल्याण करता. असले सत्-शक्ति प्रदान करचे परमात्मा विय प्रह्लाद उद्गार काडता. *"तस्मात्सर्वेषु भूतेषु दयां कुरुत सौहृयम् । आसुरं*

*भावमुन्मुच्य यया तुष्यत्यधोक्षज ॥"* - सर्व प्राणिजातींतली आसुरी वृत्ती नाश करनुं तांगेले वयर कृपादृष्टी दवरता म्हण्णुं तो अधोक्षज आसा.

*ऋतुः सुदर्वनः कालः परमेष्ठी परिग्रहः ।*
*उग्रः संवत्सरो दक्षो विश्रामो विश्वदक्षिणः ॥ ४५ ॥*

**(४१७). *ऋतुः* - जो विश्वनियम किंवा कालचक्र स्वरूप आसा, तो.**

'ऋ' गति हे धातुवयल्यान सृष्टी निर्माण-प्रलयाचे प्रक्रियेक कालचक्राचि उपमा दिवचांतु येता. *"सहयज्ञाः प्रजा सृष्ट्वा पुरोवाच प्रजापतिः ।"* - परमात्मान यज्ञासयत सृष्टी निर्माण केलि म्हण्णुं गीतेंतु सांगल्यां. यज्ञाक्रियेवयर सर्व विश्व अवलंबून आसा म्हण्णुं यज्ञ प्रक्रिया सतत चल्त आसका हो श्री कृष्णालो आग्रह आसा. कारण *"एवं प्रवर्तितं चक्रं नानुवर्तयतीह यः । अघायुरिन्द्रियारामो मोघं पार्थ स जीवति ॥"* (३.१६) *"न्यक्रतून्ग्रथिनो मृध्रवाचः पणींरश्रद्धाँ अवृधाँ अयज्ञान् । प्र प्र तान्दस्यूँरग्निर्विवाय पूर्वाश्चकारापराँ अयज्यून् ॥"* (ऋ.७.६.३) - आळशी, केवल पुस्तकी ज्ञान आशिले, असत्य उलोवचे, श्रद्धा नाशिले, बुद्धीचो उपयोग, यज्ञ किंवा सत्कर्म कर नाशिले जन समाजाचे शत्रु आसाचि. तांगेले कल्याण केन्नांयी जायनाशिल्यान ते निश्चय अवनतीक वताचि.

*ऋत* शब्दाचो अर्थ विश्वनियम म्हण्णुं आसा. धर्माचि व्याख्या युग-युगाप्रमाणें बदलली तरी ऋतानियम अनादिकालापासुन अनंतकालापर्यंत बदलनासताना आसताचि. तांचे उल्लंघन देवांकडचान बी जावूं शकना. मनुष्याली प्राणशक्ति विश्वाचे प्राणशक्तिक लागून प्रेरित जायत आशिल्यान तो अतूट संबंध मनुष्यान आपण्याले शारीरिक, मानसिक आनी आध्यात्मिक प्रगतींतु सधृढ करका.

**(४१८). सुदर्शनः - कोणांले दर्शन शुभदायक आसा, तो.**

सुदर्शन नांवाचे चक्र दुष्टांलो संहार आनी सज्जनांले रक्षण करचे स्तातीर वापरचांतु येता. शंकर हें अस्त्र श्री विष्णूक दिताना सांगता *"वरायुधोऽयं देवेश सर्वायुधनिबर्हणः । सुदर्शनो द्वादशारः षण्णाभिर्द्वियुगो जवी ॥ आरासंस्थास्त्वमी चास्य देवा मासाश्च राशयः । शिष्टानां रक्षणार्थाय संस्थिता ऋतवश्च षट् ॥"* - हे देव ! बारा आरा, स नाभी आनी दोन आयन आशिलें हें शीघ्र गतीचें आनी सर्व आयुधांतु श्रेष्ठ सुदर्शन चक्र सज्जनांले रक्षण आनी दुर्जनांलो संहार करचे स्तातीर आसा.

सुदर्शन चक्र कालचक्राचें संकेत करता. सुदर्शनाचे बारा आरा हे वर्षांचे बारा म्हैने आसून हे स नाभी हे स ऋतु. आनी दोन आयनं म्हळ्यार सूर्याले वर्सांतलिं उत्तरायण आनी दक्षिणायन आसाचि.

सुदर्शन तेजाचें प्रतीक आसून तें ज्ञान प्रदान करता. पुराणांतु सुदर्शनाचें वर्णन *"त्वं धर्मस्त्वमृतं सत्यं त्वं यज्ञोऽखिलयज्ञभुक् । त्वं लोकपालः सर्वात्मा त्वं तेजः पौरुषं परम् ॥"* - धर्म, अमृत, सत्यस्वरूप, यज्ञ, यज्ञाचो भोक्ता, लोक रक्षक, परमात्मालें परम तेज, मूल ज्योतिस्वरूप आसून तें दुष्टांक भयंकर आनी सज्जनांक सोज्वल आसा.

**(४१९). *कालः* - जो अज्ञानाचे बंधनं तुकडे करनुं ज्ञानप्रकाश दिता, तो.**

*"कालशब्दः जगद्-बंधन-छेदन-ज्ञानादि-सर्वभगवद्धर्मवाची . . . कल बंधने, कल छेदने, कल ज्ञाने, कल कामधेनुः इति पठंति"* म्हण्णुं गीताभाष्यांतु श्री मध्वाचार्य काल शब्दाचो अर्थ सांगताचि. भागवत पुराण श्री विष्णुक कालविग्रह म्हण्णुं संबोधन करता. *"विष्णौ चाधीश्वरे चित्तं धारयन् कालविग्रहे ।"*

(४२०). *परमेष्ठी* - जो परम पदांतु निवास करता, तो.

जें उत्तम आनी उत्कृष्ट आसा तें परमेष्ठी आसा. तैत्तिरीय ब्राह्मणांतु *"अयं वा इदं परमोऽभूदिति । तत्परमेष्ठिनः परमेष्ठितत्वम् । य एवं वेद । परामेष काष्ठां गच्छति इति ।"* - (प्रजापति) सर्वपेक्षां श्रेष्ठ आसून ताणें परमेष्ठी पेक्षां परमेष्ठ पद प्राप्त केल्यां. जो कोण हें जाणता तो परम पदवीक पावता.

परमेष्ठ स्वरूपांतु भगवंताले दोन्नी व्यक्त आनी अव्यक्त रूप समाविष्ट आसता. देकून ऋग्वेदांतले नासदीय सूक्ताचो (१०.१२९) ऋषी प्रजापति परमेष्ठीच शिवाय विंगड कोणिंयी आसू शकना.

परमेष्ठी शब्दाचि व्युत्पत्ति *"परमे व्योम्नि चिदाकाशे ब्रह्मपदे वा तिष्ठतीति ।"* - जो परम व्योमांतु, चिदाकाशांतु, ब्रह्मपदांतु निवास करता तो परमेष्ठी म्हण्णुंबी केलिलें आसा. *"कालो ह ब्रह्म भूत्वा बिभर्ति परमेष्ठिनम् ।"* - काल होचि ब्रह्म जावनुं परमेष्ठी म्हण्णुं प्रख्यात आसा. ॐकारस्वरूप ब्रह्म परम व्योमांतूचि आसून तांतूतले स्पंदनाक लागून कालचक्राक गति मेळता.

(४२१). *परिग्रहः* - जो संसारांतले सर्व कांय भक्षण करता, तो.

विभूतिदर्शन दिले नंतर स्वतःचि ओळख श्री कृष्ण करनुं दिता - *"कालोऽस्मि लोकक्षयकृत् प्रवृद्धो लोकान् समाहर्तुमिह प्रवृत्तः ।"* - हांवु षड्गुणपूर्ण, लोकक्षयकारी, अनादि आनी नित्य आसून जनांले संहारास्वातीर प्रवृत्त जावनुं आसा म्हण्णुं आपण्यालि ओळख श्री कृष्ण अर्जुनाक करनुं दिता. श्री मध्वाचार्य *प्रवृद्धः* शब्दाचो अर्थ *"परिपूर्णः अनादिर्वाः"* *"लोकान् समाहर्तुं इह विशेषेण प्रवृत्तः ।"* लोकसंहारास्वातीर विशेषरीतीन प्रवृत्त जालिलो म्हण्णुं करताचि.

परमात्माली शक्ति तीन तरेन अभिव्यक्त जाता - *विग्रहशक्ति, अनुग्रहशक्ति* आनी *परिग्रहशक्ति*. विग्रहांतु समाविष्ट जावनुं भक्तांले उपासने स्वातीर साधन जावचें, भक्तांवयर अनुग्रह करनुं तांगेले शरीर शुद्ध करचें, भक्तांतु आसचि न्युनता नाश करचें - हे तरेन परमात्मा आपण्यालि शक्ति प्रदान करता.

(४२२). *उग्रः* - जो भयंकर सरूप धारण करता, तो.

भगवंतालें भयंकर रूप पोळोवनुं विस्मय जालिलो अर्जुन उद्गार काडता - *"द्यावापृथिव्योरिदमंतरं हि व्याप्तं त्वयैकेन दिशश्च सर्वाः । दृष्ट्वाऽद्भुतं रूपमुग्रं तवेदं लोकत्रयं प्रव्यथितं महात्मन् ॥ अमी हि त्वा सुरसंघा विशंति केचिद्भीता प्रांजलयो गृणंति । . . ."* (११.२०-२१). *"रूपं महत्ते बहुवक्त्रनेत्रं महाबाहो बहुबाहूरुपादं । बहूदरंबहुदंष्ट्राकरालं दृष्ट्वा लोकाः प्रव्यथितास्तथाऽहं ॥"* (गीता. ११.२०-२१ आनी २३). *"भीषास्माद्वातः पवते । भीषोदेति सूर्यः । भीषास्मादग्निश्चेन्द्रश्च । मृत्युर्धावति पंचम इति ।"* (तैत्तिरीय उपनिषद)

(४२३). *संवत्सरः* - जो ऋतुचो प्रारंभ आनी अंत आसाछ तो.

विश्वाचि सुरवात गति दिलिल्यान आनी अंत नाश केलिल्यान जाता. जशें जशें संवत्सर सोंपता तशें तशें विश्व संहाराचे काल लागीं यूता. संवत्सर हें परब्रह्माले कालस्वरूप आसा. *"संवत्सरे हि प्रजापतिरजायत ।"* म्हण्णुं शतपथब्राह्मणांतु उल्लेख जाला.

*"प्रजानां पालनाद्विष्णुः प्रजापतिरितीरितः ।"* म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य सांगताचि. प्रजापतीलिं दोन रूपं.- अज आनी प्रजा - आसून जेन्नां परमात्मालें अव्यक्त रूप व्यक्त सृष्टींतु प्रवेश करता तेन्नां अज रूप प्रजा रूपांतु अभिप्रेत जाता. - *"तत्सृष्ट्वा तदेवानुप्राविशात् ।"* संवत्सराक लागून सृष्टीचें - *अस्ति, जायते, वर्धते, विपरीणमते* आनी *अपक्षीयते*

आनी नश्यते - हे तरेन परिवर्तन जाता. हे सर्व अवस्था परमात्मांतु समावेश जायत आशिल्यान तों *संवत्सरः* आसा. "*संवत्सरो वै प्रजापतिः ।*" (षट्प्रश्नोपनिषद).

(४२४). *दक्षः* - **जो सदाकाल जागरूक आसता, तो.**

सूर्य विश्वांतलो अंधःकार नाश करचांतु सदा जागरूक आशिले तरेन परमात्मा जीवांले अंतःकरणातलें अज्ञान नाश करचे स्वातीर सदा जागरूक आसता. "*य एषु सुप्तेषु जागर्ति कामं कामं पुरुषो निर्ममाणः । तदेवशुक्रं तद्ब्रह्म तदेवामृतमुच्यते ।। तस्मिन् लोकाः श्रिताः सर्वे तदु नात्येति कश्चन ।*" (काठकोपनिषद). जेन्नां राजा जनकान विचारलें "*अस्तमित आदित्ये याज्ञवल्क्य चन्द्रमस्यस्तमीते शांते अग्नौ शांतायां वाचि किंज्योतिरेवायं पुरुष इति ।*" - जेन्नां सूर्य अस्तमेंतु वता आनी चन्द्र अजून उदयाक आयलो ना, अग्नि अजून जळ्ना, तेन्नां हे पुरुषाक प्रकाश कोण दिता ? तेन्नां याज्ञवल्क्यान प्रत्युत्तर दिलें "*आत्मैवास्य ज्योतिर्भवतीति । आत्मनैवायं ज्योतिषा अस्ते पल्ययते । कर्म कुरुते । विपल्येतीति ।*" - तेन्नां परमात्माचि ताका प्रकाश दिता, परमात्माक्लागूनचि तो स्वंय जाय थंय बसता, जें कांय तें करता, जेन्नां जाय तेन्नां परत येता. श्री मध्वाचार्य हे मंत्रांतु आत्मा हो साक्षात् विष्णु आसून संसारांतु सूर्य-चन्द्र-अग्नि नासलयरियी तोचि जागरूक आसून जीवांक ज्ञान प्रदान करता.

(४२५). *विश्रामः* - **कोणांले निवास स्थान श्रम नासताना आसता, तो.**

षड्विकारांनि प्रभावित जालिल्यान संसारांतु सुख आनी समाधान केन्नांयी मेळ्ना. देकून मनुष्यालो निरंतर ह्यास शुद्ध, सात्विक परमानंदादिकान धांव घेत आसता.

परमात्मालें विशेष विश्राम स्थान मनुष्याले अंतरात्मांतु आसता. "*यः सर्वज्ञः सर्वचित् यस्यैष महिमा भुवि । दिव्ये ब्रह्मपुरे ह्येष व्योम्न्यात्मा संप्रतिष्ठितः ।*" संसारांतले सुख-दुःख आनी दोषान तो कलुशित जायना. "*सूर्यो यथा सर्वलोकस्य चक्षुः न लिप्यते चाक्षुसैर्बाह्यदोषैः । एकस्तथा सर्वभूतांतरात्मा न लिप्यते लोकदुःखेन बाह्यः ।।*" (काठकोपनिषद).

उदय-अस्त, उत्थान-पतन, सुख-दुःख, श्वास-उच्छ्वास, निमेष-उन्मेष, संकल्प-विकल्प हांचे मदलें क्षणांतु परमात्मालें शाश्वत स्थान आसून ते विशेष स्थान प्राप्त केलिल्यान मनुष्याक विना श्रम परमानंद मेळ्ता म्हण्णुं ज्ञानी जन सांगताचि. "*अंगुष्ठमात्रः पुरुषोऽंतरात्मा सदा जनानां हृदये सन्निविष्टः । तं स्यात् शरीरात् प्रवृहेत् मुंजादिवेषीकां धैर्येण । तं शवद्याच्छुक्रममृतं तं विद्याच्छुक्रममृतमिति ।।*" (कठोपनिषद) - आंगुठाचे आकाराचो पुरुष जनांलें अंतःकरणांतु आत्मरूपान सदा निवास करनुं आसता. ताका शरीरांतल्यान मुंजा तणांतल्यान सूक्ष्म गाभळी काडिले तरेन धैर्यान ते स्वंतसुखांतु अशिले अमृत परमात्माक जाणाका. तशें केलिल्यान मनुष्य दुःखांतल्यान मुक्त जाता. "*स यो ह वै तत्परमं ब्रह्म वेद ब्रह्मैव भवति नास्याब्रह्मवित् कुले भवति । तरति शोकं तरति पाप्मानं गुहाग्रंथीभ्यो विमुक्तोऽमृतो भवति ।।*" (मुण्डकोपनिषद) - सर्वोत्तम आनी अनंतगुणपूर्ण परमात्माक जाणिलो मनुष्य परमात्मातरेन ज्ञानानन्द प्राप्त करता. तागेले कुळांतु ब्रह्मज्ञान नाशिले जन्म घेवचे नांचि. तो स्वतः दुःखांतल्यान, पापांतल्यान आनी अंतःकरणांतले बन्धनांतल्यान मुक्त जाता.

(४२६). *विश्वदक्षिणः* - **जो विश्वाचि सतत काळजी घेता, तो.**

सर्वकाम, सर्ववैभवसंपन्न, सर्वगुणपरिपूर्ण आनी सर्वेश्वर आसल्यारियी तागेली नदर तो सर्वलोककल्याणास्वातीर सदा जागरूक आसता. "*न मे पार्थास्ति कर्तव्यं त्रिषु लोकेषु किंचन ।*". तरीयी विश्व संभाळचे स्वातीर तो क्रियाशील आसता. ऋतु नांवान दर्शन जालिले भगवंतालो संकल्प *विश्वदक्षिणः* नांवांन पूर्ण जाता. गीतेंतु सांगिल्लें लोकसंग्रहाचें कर्म आनी ते कर्मांचि जवाबदारी *विश्वदक्षिण* नांवान सार्थक जाता. *विश्वदक्षिण* नांव मनुष्याक आपण्याले कर्तव्याचि जाण करनुं दिता. भगवंताले जें ऋतस्वरूपान अव्यक्त आसताछ जें अवताराचे रूपान व्यकात आनी क्रियाशील जातो तेंचि मनुष्याक उदाहरण जावनुं आसा.

*विस्तारः स्थावरस्थाणुः प्रमाणं बीजमव्ययम् ।*

*अर्थोऽनर्थो महाकोशो महाभोगो महाधनः ॥ ४६ ॥*

**(४२७). *विस्तारः* - जो सर्व दिकान विस्तारित जालिलो आसा, तो.**

विस्ताराचे दोन प्रक्रिया आसताचि - मर्यादित आनी व्यापक. देकून परमात्मा अणोरणीयान् महतो महीयान् आत्माऽस्य जन्तोर्निहितो गुहायां । तमक्रतुः पश्यति वीतशोको धातुः प्रसादान्महिमानमात्मनः ॥ (कठोपनिषद) - अणुतरेन मर्यादित आनी आकाशा तरेन व्यापक आशिलो परमात्मा जीवाले अंतरात्मांतु प्रेरकशक्तिरूपान आसता. तागेले विशय निःसंशय ज्ञान आशिलो साधक परमात्माले अनुग्रहान दुःखरहित जाता.

**(४२८). *स्थावरस्थाणुः* - जो सर्व विश्वंतु निश्चितरूपान प्रतिष्ठित आसा, तो.**

स्थावर आनी स्थाणु हे दोन्नीं शब्द अनित्य दिसचे विश्वंतु नित्य आसचे मूलतत्वा दिकान दृष्टी निदर्शन करता. *"स्थावराणां हिमालयः"* म्हण्णुं श्री कृष्ण आपण्याले अचल आनी अच्युत असलें विभूतीचें वर्णन करता.

वास्तविक विश्वांतु जीव-जगत् रूपान प्रत्यक्षांतु दिसचें हे एक असत्य आसून ते मायिक आसा म्हण्णुं मानचांतु येता. ताजे पेक्षां प्रत्यक्षांतु दिसचे जीवत्रउगत् हें अस्वतंत्र, अनित्य आनी अशाश्वत म्हण्णुं मानचें जास्त सत्यस्थितीक अनुसरून आसा. विष्णु आनी आनी तागेलें तेज हेंचि अंतिम सत्य आसून जें प्रत्यक्षांतु अनुभवचांतु येता ते परमात्माले तेजोशक्तीचे माध्यमांतल्यान उक्तें जालिलें तागेलें अंशरूप आसा. देकून मूल रूप सत्य-नित्य आनी अंश रूप असत्य आनी अनित्य आसूं शकना. जें विश्व निर्माण जावचें पयलें सुप्तावस्थेंतु श्रीमन्नारायणांतु आसता तेंचि विश्व निर्माण जाले नंतर मूर्त, जीव-जगत्चे रूपान अभिप्रेत जाता.

जे कोणांक जीव-जगत् मायिक दिसता तांका वास्तविक सत्य-असत्याचो काल-देश-परिस्थितीक लागून तागेले दृष्टीकोणांतु जालिलो अनुभव म्हणका. जे तरेन स्वप्नांतले जीव-जगत् जागृतावस्थेंतु मायिक आनी अनित्य अशें भास जाता, तेचि तरेन जागृतावस्थेंतलें जीव-जगत् अपरोक्षज्ञानानंतर मनुष्याक मायिक आनी अनित्यचि दिसता. जे तरेन जागृत-स्वप्न-सुषुप्तींतु दिसचें जीव-जगत्चें दृश्य स्वरूप बदलत आसल्यारियी आत्म्याचे निजस्वरूप बदलना, ते तरेन जीव-जगत्चें दृश्य स्वरूप मायिक, नाशवंत आनी अनित्य अशें भास जाल्यायिरी जीव-जगत्चे परमात्म-तेजाचें निजस्वरूप बदलचेंना.

निरुक्तांतु माया शब्दांचो अर्थ प्रज्ञा, धी, शक्ति म्हण्णुं आसून ते शक्तीक लागून वस्तु निर्माण करचांतु किंवा वस्तूक आकार दिवचांतु येता ; देकून ती वस्तु मायिक दिसता. ती मायिक वस्तु किंवा आकार जर मनुष्य आपण्यालें निजसरूप म्हण्णुं मानता तर तो अज्ञानी आसा.

माया शब्दाचो खरो अर्थ श्री कृष्णानचि आपण्याले अवताररूपाविशय उलयताना स्पश्ट केल्यां. *"प्रकृतिं स्वामधिष्ठाय सम्भवामि आत्ममायया ॥"* (४.६) *"अव्यक्तं व्यक्तिमापन्नं मन्यन्ते मामबुद्धयः । परं भावमजानन्तो ममाव्ययमनुत्तमम् ॥"* (७.२४) *"प्रकृतिं स्वामवष्टभ्य विसृजामि पुनः पुनः । भूतग्राममिमं कृत्स्नमवशं प्रकृतेर्वशात् ॥"* (९.८). *"अवजानन्ति मां मूढा मानुषीं तनुमाश्रितम् । परं भावमजानन्तो मम भूतमहेश्वरम् ॥"* (९.११). *"ईश्वरः सर्वभूतानां हृद्देशेऽर्जुन तिष्ठति । भ्रामयन् सर्वभूतानि यन्त्ररूढानि मायया ॥"* (१८.६१) *"तमेव शरणं गच्छ सर्वभावेन भारत । तत्प्रसादात्परां शान्तिं स्थानं प्राप्स्यसि शाश्वतम् ॥"* (१८.६२). असले अनेक वचनांनि ताणें दाखयल्यां कीं तो आनी तागेले तेज हांतूत फरक नासताना जो फरक दिसता तो केवल काल समयाक लागून आसता. जें विश्व निर्माण करचांतु आयलें किंवा जे जीव-जगाक आकार दिवचांतु आयलो तें सर्व तागेलें निजाचें सरूप नासताना ताणें आपण्याले आत्म तेजान निर्माण केलिलें किंवा आपण्याले आत्म तेजाक दिलिले आकार स्वरूप आसा. परमात्मालें तेज परमात्मांतूचि अविभाज्य सरूपान आसून सूर्य आनी तागेले तेजा तरेन आशिल्यान परमात्मातरेन तागेलें तेजबी नित्य आनी अशिनाशी आसा.

**(४२९). *प्रमाणम्* - जो सर्व सत्प्रवृत्तींचे मापदंड आसा, तो.**

स्वंयचेयी एक वस्तु सत्य किंवा असत्य, ऋत किंवा अनृत, नित्य किंवा अनित्य हांचो विवेक करचो आसल्यार जें सत्य आसा आनी जें सत्य ना म्हण्णुं दाख्योवचाक एक मापदंड आसचाक जाय. सर्व विश्वाचि निर्मिती परमात्माक लागून आशिल्यान आनी जें कांय विश्वांतु आसा तें सर्व साक्षात् परमात्मालेंचि तेजाचें प्रतिबिंब आशिल्यान मापचांतु येवचो वस्तु आनी ताजे खातीर वापरचांतु येवचो मापदंड एकचि सत्याचे दोन रूपं आसाचि.

*"एतान्नानावताराणां निधानं बीजमव्ययम् । यस्यांशेन सृज्यन्ते देवतिर्यङ्नरादयः ॥"* म्हण्णुं भागवत पुराणांतु सांगचांतु येता.

## (४३०). *बीजमव्ययम्* - जो अविनाशी बीज रूपान आसा, तो.

विश्वाचे कारण जावनुं आसचें आनी प्रलय जाले नंतर अनंतसागरांतु आसचें अविनाशी सत्य परमात्मा आसून तागेलो उल्लेख *"गतिर्भर्ता प्रभुः साक्षी निवासः शरणं सुहृत् । प्रभवः प्रलयः स्थानं निधानं बीजमव्ययम् ॥"* म्हण्णुं गीतेंतु (९.१८) केलिलो आसा. परमात्मा अव्यय सूक्ष्म बींय आसून तेंचि अश्वत्थ वृक्षाचें स्थूल रूप धारण करता. आनी तें वृक्ष अनेकानेक सूक्ष्म बींय निर्माण करता. हे तरेन परमात्मा अविरत चलचे हे विश्वाक गती दिता.

## (४३१). *अर्थः* - जो जीवनाचे अंतिम लक्ष्य जावनुं आसा, तो.

दर एक उपनिषदांतु मनुष्यालें अंतिम लक्ष्य दाख्योवचांतु आयल्यां. *"येनाश्रुतं श्रुतं भवति अमतं मतम् अविज्ञातं विज्ञातं इति ।"* (छांदोग्योपनिषद) जें आयकलिल्यान सर्व कांय आमकुवचांतु, जे जाणिल्यान सर्व कांय जाणचांतु येता तेंचि ब्रह्म आसा म्हण्णुं श्वेतकेतूलो बापय सांगता. *"यत् प्राणेन न प्राणिति येन प्राणः प्रणीयते । तदेव ब्रह्म त्वं विद्धि नेदं यदिदमुपासते ।"* - जो मुख्यप्रणाक लागून प्रेरित जायना पुण जो मुख्यप्राणाक प्रेरित करता तोचि ब्रह्म आसून जे कोणांक जन हे जगांतु उपासिताचि तो परमात्मा न्हंय म्हण्णुं केनोपनिषदांतु सांगल्यां. *"सर्वे वेदा यत्पदमामनंति तपांसि सर्वाणि च यद्वदंति । यदिच्छन्तो ब्रह्मचर्यं चरन्ति तत्ते पदं संग्रहेण ब्रवीमि । ॐ इत्येतत् । एतद्ध्येवाक्षरं ब्रह्म एतद्ध्येवाक्षरं परं । एतद्ध्येवाक्षरं ज्ञात्व यो यदिच्छति तस्य तत् ।"* - कोणांले विशय वेद उलयताचि, साधक उपासना करताचि तें ॐ आसा, म्हण्णुं नचिकेताक यमधर्मराय उपदेश करता.

## (४३२). *अनर्थः* - कोणाक स्वतःचे असलें अंतिम लक्ष्य ना, तो.

परमात्मा स्वतः आप्त-काम आनी आत्मतृप्त आशिल्यान ताणें करचें कार्य कसलेंयी श्रेय साधचाक किंवा स्वंयचेयी इच्छा पूर्ण करचे खातीर न्हंय. तरी लोककल्माणाखातीर तो सदा कार्यशील आनी कार्यरत आसता. तागेले कार्य केवळेन केवल लीलास्वरूप आसा.

## (४३३). *महाकोशः* - जो एक महान् संग्रह जावनुं आसा, तो.

परमात्मा पूर्ण आनी जें कांय विश्वांतु आसा तें सर्व तागेलें अभिव्यक्त जालिलें स्वरूप आशिल्यान तोचि ते सर्वांचो भाण्डार जावनुं आसा.

अन्नमय, प्राणमय, मनोमय, विज्ञानमय आनी आनंदमय कोशांचें संग्रहित स्वरूप म्हळ्यार महाकोश परमात्मा जावनुं आसा. *"सत्यं ज्ञानमनंतं ब्रह्म । यो वेद निहितं गुहायां परमे व्योमन् । सोऽश्नुते सर्वान् कामान् सह ब्रह्मणा विपश्चितेति ॥"* म्हण्णुं तैत्तिरीय उपनिषदांतु सांगल्या.

## (४३४). *महाभोगः* - जो सर्वतृप्त आशिल्यान अत्यंत समाधानी आसा, तो.

*"अहं हि सर्व यज्ञानां भोक्ता च प्रभुरेव च ।"* जें सर्व कांय तोचि आशिल्यान तोचि यज्ञ, यज्ञाचे आशय, यज्ञांतलो हवि, यज्ञाचो भोक्ता आनी यज्ञांतलि भगवत्शक्ति आनी यज्ञांतलो महाप्रसाद जावनुं आसा. *"ब्रह्मार्पणं ब्रह्म हविर्ब्रह्माग्नौ ब्रह्मणा हुतम् । ब्रह्मैव तेन गन्तव्यं ब्रह्मकर्मसमाधिना ॥"* (गीता.४.२४).

(४३५). *महाधनः* - **जो महा ऐश्वर्यवान् आसा, तो.**

भोगांतु परमात्मा परमानंदस्वरूप आसल्यार योगांतु तो ऐश्वर्यस्वरूप आसा. श्री तागेली शक्तिस्वरूपिणी तेज आसून भगवंत सतः श्रीमान्, वैभवशाली आसा. जे तरेन सूर्यापासून तागेलें तेज अभिन्न आसता, ते तरेन परमात्मापासून श्री, वैभव, तेज अभिन्न आसता.

*अनिर्विण्णः स्थविष्ठोऽभूर्धर्मयूपो महामखः ।*
*नक्षत्रनेमिर्नक्षत्री क्षमः क्षामः समीहनः ॥ ४७ ॥*

(४३६). *अनिर्विण्णः* - **कोणाक उद्वेग आसना, तो.**

जे तरेन सूर्य अंधःकार जाणना, ते तरेन सत्यसंकल्प आनी सर्वशक्तिमान् परमात्माक शोक आनी दुःखाचो अनुभव ना. शरीर आनी शरीर वासनेपासून तो अलिप्त आशिल्यान संसार तापत्रयान त्रस्त जायना.

(४३७). ***स्थविष्ठः*** - **जो अप्रतिम स्वरूपाचो आसा, तो.**

परमात्मालें मूल स्वरूप सूक्ष्म आशिल्यान तागेलो साक्षात्कार साधकाक पयलें स्थूल रूपांतूचि घेवचें आसता. देकून श्री कृष्णान अर्जुनाक सांगल्ले *"क्लेशोऽधिकतरस्तेषामव्यक्तासक्तचेतुाम् । अव्यक्ता हि गतिर्दुःखं देहवाद्भरवाप्यते ॥"* (गीता.१२.५) ऋषी शुकदेवबी राजा परीक्षिताक उपदेश करता *"जितासनो जितश्वासो जितसङ्गो जितेन्द्रियः । स्थूले भगवतो रूपे मनः संधारयेद्धिया ॥ विशेषस्तस्य देहोऽयं स्थविष्ठश्च स्थवीयसाम् । यत्रेदं दृश्यते विश्वं भूतं भव्यं भवच्च सत् ॥ इयानसावीश्वरविग्रहस्य यः सन्निवेशः कथितो मया ते । संधायतेऽस्मिन्वपुषि स्थविष्ठे मनः स्वबुद्ध्या न यतोऽस्ति किंचन ॥"* - आसन आनी श्वासावयर विजय प्राप्त करनुं, संग त्याग आनी इन्द्रियं नियंत्रणेंतु दवरनुं हे विश्वांतु जें जाल्या, जें जायत आसा आनी जें मुखार जावचे आसा तें सर्व भगवंताले स्थूल स्वरूप म्हण्णुं जाणनुं मन स्थिर दवरिल्यान साधकाक भगवत्दर्शन जाता.

(४३८). *अभूः* - कोणाक जन्म ना, तो.

परमात्मा नित्य स्वरूपाचो आशिल्यान सर्व ताका मनुष्यांतरेन जन्म मरण ना. तागेलें वासत्व विश्वांतले कण-कणांतु दिसून येता. *"अजोऽपि सन्नव्ययात्मा भूतानामीश्वरोऽपि सन् ।"* म्हण्णुं गीतेंतु सांगल्या. तो सर्व भूतजातींचो अधिपति जावनुं आसा.

(४३९). *धर्मयूपः* - जो धर्माचो आधार स्थंभ आसा, तो.

सृष्टीचे सुरवातीपासून धर्माचे नियमं सनातन आनी अचल आसाचि. जेन्नां जेन्नां जगांतु धर्म नियमांविषय अज्ञान वाढता तेन्नां तेन्नां धर्म परत स्थापन करचे खातीर भगवंत अवतारधारण करता.

पुरुषयज्ञांतु परमात्मान आहूतिरूपान स्वतःक अर्पण केलिल्यान यज्ञ कुंण्डांतल्यान धर्म नियमांचो उगम जालो. जे तरेन यज्ञांतु बलिदान दिताना पुरुषाक 'यूप' - खांब्याक - बांदलें ते तरेन मनुष्यान स्वतःक परमात्मरूपी धर्म होचि यूप म्हण्णुं माननु ताजो आधार घेवनुं सत्पथावयर स्थिर चलचाक जाय.

(४४०). *महामखः* - **जो महान् यज्ञस्वरूप आसा, तो.**

श्री भगवान म्हणालो

- हे पार्था, जो कोण सहस्रनामान मेगेलि स्तुति करचि इच्छा करता, तो सकयल दिलिले एक श्लोकान स्तुति केल्यारबी मेगेलि सर्व स्तुति केल्ले तरेन आसा. हांतूत संशय ना.

*नमोस्त्वनंताय सहस्रमूर्तये सहस्रपादा क्षिशिरोरु  बाहवे ।*
*सहस्रनाम्ने पुरुषाय शाश्वते सहस्रकोटियुगधारिणे नमः ॥*

- अनंत, हजारो रूपं आशिलो, हजार पाय, दोळे, मस्तक, बाहु धारण केलिलो, असंख्य नावं आशिलो, हजार कोटि युगं धारण केलिलो सनातन पुरुषाक हांवु नमस्कार करतां.

*नमः कमलनाभाय  नमस्ते जलशायिने ।*
*नमस्ते केशवानन्त वासुदेव नमोऽस्तु ते ॥*

- देंवळांतु कमल आशिले तुका नमस्कार. जळाशयांतु निदिले तुका नमस्कार. हे केशवा, हे अनन्ता, तुका नमस्कार. हे वासुदेवा, तुका नमस्कार.

*वासनाद्वासुदेवस्य वासितं भुवनत्रयम् ।*
*सर्वभूतनिवासोऽसि वासुदेव नमोऽस्तु ते ॥*

- वासुदेवाले इच्छेनचि तीन जगांतले जन निवास करताचि. आनी हे वासुदेवा तूंचि सर्व जीवांतु निवास करनुं आसा. हांवु तुका नमस्कार करतां.

*नमो ब्रह्मण्यदेवाय गोब्राह्मणहिताय च ।*
*जगद्धिताय कृष्णाय गोविन्दाय नमो नमः ॥*

- ब्राह्मणांले देवाक, गाय-ब्राह्मणांले हितचिंतकाक नमस्कार.  जगाचे हित करचे श्री कृष्णाक आनी गोविन्दाक मेगेलो नमस्कार.

*आकाशात्पतितं तोयं यथा गच्छति सागरम् ।*
*सर्वदेवनमस्कारः केशवं प्रतिगच्छति ॥*

- जे तरेन आकाशांतु पडिलें उदाक सागरांतु वता, ते तरेन सर्व देवांक केलिलो नमस्कार केशवाक परत वता.

*एष निष्कंटकः पंथा यत्र संपूज्यते हरिः ।*
*कुपथं तं विजानीयाद्गोविन्दरहितागमम् ॥*

- जे परंपरेंतु श्री हरीलें स्मरण जात आसता तीचि परंपरा निष्कंटक आसता. आनी जे परंपरेंतु गोविंदाले स्मरण जायना ती परंरपरा वायट परंपरा आसा.

*सर्ववेदेषु यत्पुण्यं सर्वतीर्थेषु यत्फलम् ।*
*तत्फलं समवाप्नोति स्तुत्वा देवं जनार्दनम् ॥*

- जें पुण्य सर्व वेद जाणिल्यान मेळ्ता, जें फल सर्व तीर्थयात्रेन मेळ्ता, तें फल देव जनार्दनालि स्तुति केलिल्यान मनुष्याक मेळ्ता.

वेदिक संस्कृति यज्ञसंस्थेन प्रभावित जालिली आसा. विश्व निर्माणाचे नंतर ताजें विंग-विंगड अंग निर्माण करचे खातीर देवांनी एक यज्ञ केलो. जेन्नां ते यज्ञांतु आहुति दिवचो वेळ आयलो तेन्नां देवांले लक्ष्यांतु आयलें कीं जें आसा तें सर्व पुरुषापासून निर्माण जालें आनी तागेले शिवाय विंगड कांयी प्राप्त नाशिल्यान यज्ञांतु ते पुरुषाकचि हविरूपान अर्पण केलें. आनी ताका लागून परमात्माले सूक्ष्म आनी आध्यात्मिक स्वरूपाक जड आनी भौतिक नाम-रूप प्राप्त जालें. हे तरेन यज्ञकर्ता, यज्ञक्रिया आनी यज्ञ हे सर्व भगवान श्री विष्णुले रूपान अभिव्यक्त जाले.

## (४४७). *ईज्यः* - जो सर्वांतु प्रभावी आनी पूजनीय आसा, तो.

पुरुष यज्ञांतले हे असामान्य कार्याक लागून श्री विष्णु सर्वांपासून स्तवनीय आनी पूजनीय जालो. *"वासुदेवपरा वेदा वासुदेवपरा मखाः । वासुदेवपरा योगा वासुदेपराः क्रियाः ॥ वासुदेवपरं ज्ञानं वासुदेवपरं तपः । वासुदेवपरो धर्मो वासुदोपरा गतिः ॥"*

भगवंताले तरेन जावचें आसल्यार भगवंताले तरेन असामान्य कार्य करचें साहस करका. जे तरेन भगवंतान विश्वनिर्माण आनी लोककल्याणाखातीर आपण्याले स्वतःचे सर्वस्व पुरुषयज्ञांतु अर्पण केलें ते तरेन मनुष्यान आपण्यांली बुद्धि, शक्ति, संपत्ती आनी सेवाभावना लोककल्याणाखातीर वैश्विक यज्ञांतु अर्पण करका. भगवंतान घालनुं दिलिलें हे उदाहरण स्वतःचे जीवनांतु पालन केल्यारीचि भगवंताले सान्निध्य प्राप्त जायत, अन्यथा ना.

देकून *"त्रैविद्या मां सोमपाः पूतपापा यज्ञैरिष्ट्वा स्वर्गतिं प्रार्थयन्ते । ते पुण्यमासाद्य सुरेन्द्रलोकमश्नन्ति दिव्यान्दिवि देवभोगान् ॥ . . यान्ति देवव्रता देवान् पितृन्यान्ति पितृव्रताः । भूतानि यान्ति भूतेज्या यान्ति मद्याजिनोऽपि माम् ॥"* (गीता. ९. २० आनी २५).

## (४४८). *महेज्यः* - जो सर्वांकडचान विशेषरूपान पूजनीय आसा, तो.

असले असामान्य व्यक्तिमत्वाक लागून विष्णु सर्वां कडचान विशेष रूपान पूजनीय आसा.

## (४४९). *क्रतुः* - जो ज्ञान स्वरूप जावनुं आसा, तो.

*"क्रतुश्च ज्ञानरूपत्वात् स एव हि जनार्दनः ।"* -विष्णु ज्ञानान प्राप्त जावचें लक्ष्य आसा म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य सांगताचि. छांदोग्योपनिषदांतु सांगल्यां *"अथ खलु क्रतुमयः पुरुषः यथा क्रतुः अस्मिन् लोके । पुरुषो भवति तथेतः प्रेत्य भवति स क्रतुं कुर्वीत ॥"* - परमात्मा ज्ञानसंकल्पान प्राप्त जावचो तसलो आसून जे तरेन तागेलो संकल्प करचांतु येता ते तरेन तो प्राप्त जाता. देकून ज्ञाननिष्ठेन तागेले विषय संकल्प करका.

## (४५०). *सत्रम्* - जो सत्याचें परिपालन करता, तो.

*"सतस्त्रायत इति ।"* - भगवंत सत्य संकल्पांचे रक्षण करता देकून तो सत्र आसा, म्हण्णुं श्री शंकराचार्य स्पश्टीकरण दिताचि. यज्ञ समारंभांतु अनुष्ठानापासून पूर्णाहुतीपर्यंतचो काळ पवित्र आसता. तेन्नां अशुभ विचार मनांतल्यान काडनुं थंय सत्य आनी शुभ संकल्प आश्रित करचाक जाय. असले वातावरणांतूचि दिव्य प्रकाष अंतःकरणांतु पसरता.

## (४५१). *सतां गतिः* - जो साधकांले अंतिम लक्ष्य आसा, तो.

ऋषीक जेन्नां परमात्मालो साक्षात्कार जाता तेन्नां तो उद्गार काडता *"वेदाहम् एतं पुरुषं महान्तम् आदित्यवर्णं तमसः परस्तात् । तमेव विदित्याति मृत्युम् एति नान्यः पन्था विद्यतेऽयनाय ॥"*

## (४५२). *सर्वदर्शी* - जो सर्वांक पळयता, तो.

परमात्मा सर्वव्यापी आशिल्यान तागेले नदरेंतल्यान कांयी भायर आसना. तो सर्वदृष्टा आनी सर्वसाक्षी आसा. ताका काल, देश किंवा अवस्था बंधन घालना. *"यो विश्वाभि विपश्यति भुवना सं च पश्यति ।"* (ऋ.३.६२.९) - तो विश्व सर्वबाजून पळयता आनी विश्वांतले सर्वांक एकत्रित पळयता.

(४५३). *विमुक्तात्मा* - **जो नित्यमुक्त चैतन्य आसा, तो.**

सृष्टी निर्माण जाले नंतर जीव-जगत् भगवंताक आश्रय आसता. पुण तो कोणांलोयी आश्रय घेना. तो नित्य आनी मुक्त परमात्मा आसता.

(४५४). *सर्वज्ञः* - **जो सर्व कांय जाणता, तो.**
(४५५) *ज्ञानमुत्तमम्* - **कोणांले विषयचें ज्ञान उत्तम श्रेणीचें आसा, तो.**

भगवंतानचि सर्व कांय निर्माण केलिल्यान ते सर्वांचे ज्ञान ताकाचि आसा. ज्ञाता, ज्ञान आनी ज्ञेय - तागेल्यांतु एकत्रित आशिल्यान तागेलें ज्ञान उत्तम प्रतीचें आसा. असले पूर्णब्रह्माक जो जाणता, तोचि सर्व कांय जाणता - *"एवं सर्वोत्तमस्य परमेश्वरस्य विज्ञानात् सर्वं विज्ञातमिव भवति ।"* म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य स्पश्ट करताचि.

परमात्मालें ज्ञान इन्द्रियांचे मुखांतर किंवा बुद्धि, कर्म किंवा तप केलिल्यान मेळ्ना. कोणांले मन शुद्ध -पावन आनी अंतंकरण पवित्र आसता ताकाचि ज्योति स्वरूप भगवंतालें दर्शन जाता. *"यः सर्वज्ञः सर्वविद् यस्य ज्ञानमयम् तपः"* म्हण्णुं मुण्डकोपनिषदांतु वर्णन केल्यां.

> *सुव्रतः सुमुखः सूक्ष्मः सुघोषः सुहृत् ।*
> ***मनोहरो जितक्रोधो वीरबाहुर् विदारणः ॥ ४९ ॥***

(४५६). *सुव्रतः* - **कोणांलें व्रत आनी आचरण शुभ संकल्प आसताचि, तो.**

विश्वाचें नियंत्रण करचाक जरूर आशिले यम-नियमांचे आचरण भगवंतानचि घालनुं दिलिल्यान तो सुव्रतः, सत्यव्रत, पुण्यव्रत आनी धृढव्रत म्हणोवनुं घेता. मनुष्यान जर तीं नियमं स्वीकारलीं तर तागेले दृष्टीकोण नियमित व्रताचरणकि लागून व्यापक जाता.

जीवनाचे दर एक पावलारि व्रतांचे पालन करचें आसता. छांदोग्योपनिषदांतु व्रतांचे निवेदन केलिलें आसा. *"महामनाः स्यात् । तद् व्रतं । . . . न प्रत्यङ् अग्निमाचामेत् । न निष्ठीवेत् । तद् व्रतं । . . . न कांचन परिहरेत् । तद् व्रतं । . . . तपंतं न निंदेत् । तद् व्रतं । . . . वर्षंतं न निंदेत् । तद् व्रतं । . . . ऋतून् न निंदेत् । तद् व्रतं । . . . लोकान् न निंदेत् । तद् व्रतं । . . . पशून् न निंदेत् । तद् व्रतं । . . . संवत्सरं मज्ञो नाश्नियात् । तद् व्रतं । मज्ञ नाश्नियादिति वा । . . . ब्राह्मणान् न निंदेत् । तद् व्रतं । . . . सर्वमस्मीत्युपासीत् । तदद्व्रतं । तद् व्रतं ।"* - साधकान आपण्यालें मन प्रशस्त करका, अग्निमुखार बसून तोंडांतले उदाक थूंक न्हंय, स्त्रीलो अपमान कर न्हंय, तापचे सूर्यालि निंदा कर न्हंय, जास्त पावसु पडलो म्हण्णुं निंदा कर न्हंय, ऋतु बदलताना निंदा कर न्हंय, जगाचि निंदा कर न्हंय, जनांवरांचि निंदा कर न्हंय, (गुरूले आश्रमांतु) शिक्षण घेताना एक वर्षभर अनिर्बन्ध जेवण जेव न्हंय, ज्ञानी जनांलि निंदा कर न्हंय, जें सर्व आसा तें सर्व श्री विष्णु आसा म्हण्णुं उपासना करका - हें व्रत आसा, हेंचि तें व्रत आसा.

जे तरेन उपासना आसता ते तरेन तार्जे फल मेळता. वास्तविक श्री विष्णुपरमात्मा सर्वांतरव्यापी आशिल्यान खंयचेयी देवांक पूजल्यारियी ती पूजा अखेरीक भगवंताकचि पावता - *"येऽप्यन्यदेवता भक्ता यजन्ते श्रद्धान्विताः । तेऽपि मामेव कौन्तेय यजन्त्यविधिपूर्वकम् ॥"* (९.२३).

(४५७). *सुमुखः* - **कोणांले दर्शन शुभ आसा, तो.**

शुभसंकल्पान अभिव्यक्त जावचे परमात्मालें व्यक्तिमत्वबी शुभस्वरूप आसता. तागेले दर्शनान मन प्रफुल्ल आनी अंतःकरण शांत जाता. *"शुक्लांबरधरं विष्णुं शशिवर्णं चतुर्भुजम् । प्रसन्नवदनं ध्यायेत् सर्वविघ्नोपशान्तये ॥"*

भागवत पुराणांतु श्री विष्णुलें सुंदर वर्णन दिलिलें आसा. *"प्रसन्नवदनाम्भोजं पद्मगर्भारुणेक्षणम् । नीलोत्पलदलश्यामं शंखचक्रगदाधरम् ॥ लसत्पंकजकिञ्जल्कपीतकौशेयवाससम् । श्रीवत्सवक्षसं भ्राजत्कौस्तुभामुक्तकन्धरम् ॥"* श्री रामचन्द्रालें स्वरूपवर्णन करतानाबी वाल्मिकी ऋषी *"विष्णुना सदृशो वीर्यो सोमवत् प्रियदर्शनः"* शब्द वापरता.

**(४५८). *सूक्ष्मः* - जो अत्यंत सूक्ष्मस्वरूप आसा, तो.**

*"बृहच्च तद्दिव्यमचिंत्यरूपं सूक्ष्माच्च तत्सूक्ष्मतरं विभाति । दुरात् सुदूरे तदिहांतिके च पश्यत्स्विहैव निहितं गुहायाम् ॥"* (मुंण्डकोपनिषद) - विस्तृत, दिव्य, अचिंतनीय, सूक्ष्मापेक्षां सूक्ष्म आसून तो प्रकाश पसरायता. दूर आसून बी लागीं गूढ प्रदेशांतु तो दिसचांतु येता. *"एष सर्वेषु भूतेषु गूढात्मा न प्रकाशते । दृश्यते त्वग्रयया बुद्ध्या सूक्ष्मया सूक्ष्मदर्शिभिः ॥"* (कठोपनिषद) - तो गूढ आसून साधारणतः सर्वांक दीसना. तागेले अनुग्रह आशिले ऋषींक मात्र तो दिसता.

**(४५९). *सुघोषः* - कोणांलो अवाज शुभदायक आसा, तो.**

भगवंताले स्वर आनी स्वरूप नाम आनी रूपान अभिप्रेत जाता. *"तद्देदं तर्ह्यव्याकृतमासीत् । तन्नामरूपाभ्यामेव व्याक्रीयत असौनामाऽयमिदंरूपः इति ।"* - जें पयलें विकारशून्य आशिलें, तेंचि मागीर नांव आनी रूपान साकार जालें. ताणेंचि सूक्ष्म आनी शुभ असले ॐकार नादब्रह्मरूप धारण केलें.

बृहस्पति ऋषीलें प्रेरणेक लागून नादब्रह्माचो प्रथम शोध लागलो. *"बृहस्पते प्रथमं वाचो अग्रं यत् प्रैरत नामधेयं दधानाः । यद् एषां श्रेष्ठं यद् अरिप्रम् आसीत् प्रेणा तद् एषां निहितं गुहाविः ॥"* हे शब्दब्रह्मक लागून अंतरात्मांतले गूढ आनी रहस्य समजचांतु आयलें. श्री मध्वाचार्य सांगताचि - *"ओतमत्र जगद्यस्मादों तस्माद् भगवान् हरिः । तदिदं गुणपूर्त्यैव सर्वमित्येव शब्दितं । भाविभूतभवत्कालेष्वेकरूपतया हरिः ॥ सर्वदा नित्य इत्येषा व्याख्यॉकारस्य कीर्तिता ॥"*

**(४६०). *सुखदः* - जो सर्व सुख प्रदान करता, तो.**

**(४६१). *सुहृत्* - जो शुभ विचारांचो मित्र आसा, तो.**

*"श्रुण्वतां स्वकथां कृष्णः पुण्यश्रवणकीर्तनः । हृद्यन्तःस्थो ह्यभद्राणि विधुनोति सुहृतसताम् ॥"* - कांयी अपेक्षा दवर नासताना श्री कृष्ण साधुजनांलो मित्र आसता. जो कोण तागेले शुभनांवांचे चिंतन करता तांका तो सर्व पापांतल्यान मुक्त करता. देकून ज्ञानी जन केन्नांयी भगवंताले नामस्मरण करताचि.

छांदोग्योपनिषद म्हणता *"यो वै भूमा तत्सुखं नाल्पे सुखमस्ति ।"* - भगवत्प्राप्तिंतु आशिलें सुख अनंत आनी शाश्वत सुख आसता. गीतेंतु (६.२१) हे परमानंदाचे वर्णन - *"सुखमात्यन्तिकं यत्तद् बुद्धिग्राह्यमतीन्द्रियम् । वेत्ति यत्र न चैवायं स्थितश्चलति तत्वतः ॥"* देकून *"सुहृदं सर्वभूतानां ज्ञात्वा मां शांतिमृच्छति ।"* (५.२९).

**(४६२). *मनोहरः* - जो सर्वांले मन हरण करता, तो.**

संत बिल्वमंगल एक भजनेंतु गायता - *"जिह्वे सदैव भज सुंदराणि नामानि कृष्णस्य मनोहराणि । मुकुन्द वैकुंठ हरे मुरारे गोविन्द दामोदर माधवेति ॥"* कृष्णाले सुंदर आनी मनोहर नांवांचे जीभेन उच्चार केल्यार भायरचे आकर्शणान मन विचलित जायना. नाम स्मरणान ध्वनि, ध्वनीन रस, रसाक लागून मनाचो प्रवाह परमात्मादिकान फिरता. *"यत्कीर्तनं यत्स्मरणं यदीक्षणं यद्वन्दनं यच्छ्रवणं यदर्हणम् । लोकस्य सद्यो विधुनोति कल्मषं तस्मै सुभद्रश्रवसे नमो नमः ॥"*

**(४६३). *जितक्रोधः* - कोणें क्रोध जिंकला, तो.**

जें जाय तें मेळ नासल्यार मनांतु क्रोध उत्पन्न जाता. पुण परमात्मा निष्काम आशिल्यान ताका प्राप्त करचें अशें कांयी नासता. भक्तांनि सहस्र अपराध केल्यारियी तांगेले प्रति क्रोध नासताना दयेचि भावना आसता. जरी परमात्माक क्रोध आयलो तरी तो मनुष्यांले भितर आशिले अहंकार, तामस आनी अन्य कल्मष नाश करनुं तांका मोक्ष दिवचे उद्देशान आसता.

(४६४). *वीरबाहुः* – **कोणांले बाहू शक्तिशाली आसाचि, तो.**

भगवान श्री विष्णुलें सर्वव्यापक आनी शक्तिस्वरूप वर्णन "अनेकबाहूदरवक्त्रनेत्रं . . . सर्वतोऽनंतरूपं नांतं न मध्यं न पुनस्तवाऽदिं . . . विश्वेश्वर विश्वरूपं" म्हण्णुं करचांतु येता. 'अनेक' आनी 'अनंत' हे शब्द विष्णुले व्यापक आनी असामान्य शक्ति दर्शायता. स्वंय स्वंय शक्तिचो प्रभाव दिसता थंय थंय भगवंताले अस्तित्व आसता. *"यद्यद् विभूतिमत् सत्वं श्रीमदूर्जितमेव वा । तत्तदेवावगच्छ त्वं म तेजोंऽशसंभवं ॥"* (गीता.१०.३९ आनी ४१). – ताजे व्यतिरिक्त विंगड कांयी नाशिल्यान *'विश्वरूपः, अनंतगतिः, अनंतभागः, अनंतगः, अनंतः'* असले शब्दान तागेले वर्णन जाता.

(४६५). *विदारणः* – **कोणांले तेज शत्रूंले काळीज विदीर्ण किंवा नाश करता, तो.**

साधु जनांले रक्षण आनी दुष्ट जनांलो विनाश  कार्याखातीर परमात्मा अवतार घेता. मनुष्याले अंतःकरणांतलो अहंकार तागेले आध्मात्मिक जीवनांतु महान् शत्रु आसा. हिरण्यकशिपु अहंकाराचे प्रतीक आशिल्यान तागेले हृदयांतलो अहंकार निर्मूल करचे खातीर नरसिंह रूपान तागेलें काळीज तो फाडता.

*स्वापनः स्ववशो व्यापी नैकात्मा नैककर्मकृत् ।*
*वत्सरो वत्सलो वत्सी रत्नगर्भो धनेश्वरः ॥ ५० ॥*

(४६६). *स्वापनः* – **जो सर्व जीवांवयर मायाशक्तिचें आवरण घालता, तो.**

*"ईश्वरः सर्वभूतानां हृद्देशेऽर्जुन तिष्ठति । भ्रामयन् सर्वभूतानि यन्त्रारूढानि मायया ॥"* म्हण्णुं गीतेंतु (१८.६१) श्री कृष्ण सांगता. **मायाशक्तीक लागून जीव आपण्यालि आत्मस्थिति, आात्मस्मृति आनी आत्मशक्तिचो विसरता.** मुक्तिचि व्याख्या **'मुक्तिर्नैजसुखानुभूति' म्हण्णुं आसा. जेन्नां प्राकृतिक देह आनी इन्द्रियांन मेळचे सुखापेक्षां स्व-स्वरूप** ज्ञानाचें सुख जास्त **श्रेष्ठ म्हण्णुं मनुष्य जाणता तेन्नांचि तो मुक्तियोग्य जाता.**

(४६७). *स्ववशः* – **जो आपण्याले आधीनचि आसा, तो.**

भगवान सर्वतरेन स्वतंत्र आसून सर्व चेतन-अचेतन विश्व तागेलें आधीन आसता. *"मया ततमिदं सर्वं जगदव्यक्तमूर्तिना । मत्स्थानि सर्वभूतानि न चाहं तेष्ववस्थितः ॥"* – जें सर्व विश्व परमात्मा भितर व्याप्त आशिल्यान तें सर्व तागेलें आधीन आसताचि, आसतना तो जगाले आधीन ना. *'अहं प्रभुरास्मि'* हे वाक्यावयर श्री मध्वाचार्य स्पष्टीकरण शदताचि – *"प्रधानश्च स्वतंत्रश्च तन्मूलखिलं जगत् । तदाधारं विमुक्तौ च तदधीनं सदा स्थितम् ॥ सूक्ष्मो व्यापकः पूर्णः तदीयमखिलं जगत् । तस्मात् तदीयः त्वमसि नैव सोऽसि कथंचन ॥"* – केवल परमात्मा स्वतंत्र आसून तागेले आधारावयरीचि सर्व जग आश्रित आसा. देकून केन्नांयी मनुष्य परमात्मा जावू शकना.

(४६८). *व्यापी* – जो सर्व दिकान व्यापुन आसा, तो.

आपण्यालें प्रभुत्व विश्वांतले दर एक कणकणांवयर पांघरूण घालनुं केवल परमात्मा सदा स्थिर आसता. तागेलें विष्णु हें नांव तागेले व्यापक शक्ति दर्शायता. अनंत ब्रह्मांण्डांतु प्रभावित जालिलें हे चैतन्याचो अविष्कार जेन्नां मनुष्याले अंतःकरणांतु प्रकाश घालता तेन्नां ताका आपण्याले निजस्वरूपाचो अनुभव जाता. ताकाचि मुक्ति किंवा मोक्ष म्हणताचि.

## (४६९). *नैकात्मा* - जो अनेक आत्मरूपान अभिप्रेत जालिलो आसा, तो.

एकचि आत्मा अनेक जीवांतले अंतरात्मांतु निवास करनुं प्रेरित करनुं समस्त विश्वाक चलन दिता. *अहं* हे शब्दांतु *'अ'* सुरवातीक आनी *'ह'* अखेरिक आसून अनुस्वारांतु ॐकाराचि व्याप्ति एकठायिली आसा. हे तरेन विश्व परम चैतन्यान भरिलें आसा.

## (४७०). *नैककर्मकृत्* - जो अनेक कर्म करता, तो.

विश्वांतु एकचि कर्ता भगवान् श्री विष्णु आसून तोचि सर्व जीवांक प्रेरित करनुं तांगेले मुखांतर कर्म करोवनुं घेता. तरीयी मनुष्य आपण्याले अहंकाराक लागून आपूणचि कर्ता म्हण्णुं समजता. हे अज्ञानाक लागून तो आपण्याले संसारांतले बंधनाक कारण जावनुं आसा. पुण जो मनुष्य आपण्याले सर्व कार्यांतु परमात्मालो कर्तुत्व पळ्यता तो आपण्याले कर्मबंधनांतल्यान मुक्त जाता. *"यस्तु सर्वाणि भूतानि आत्मन्येवानु पश्यति । सर्वभूतेषु चात्मानं ततो न विजुगुप्सते ॥"* - जेन्नां मनुष्य सर्व चेतन अचेतन सृष्टींतु परमात्म आश्रय आनी नियामक आशिलें पळ्यता तेन्नां तागेले मन अविचल जायना. *"यस्मिन् सर्वाणि भूतानि आत्मैवाभूत् विजानतः । तत्र को मोहः कः शोकः एकत्वमनु पश्यति ॥"* - सर्व वस्तूंतु परमात्मालें अस्तित्व पळयिले मनुष्याक कसलें तें अज्ञान आनी कसलें तें दुःख ? इशावास्योपनिषदाचे हे मंत्रांतले रहस्य जो जाणता तोचि मुक्तियोग्य आसता. ***"यो मां पश्यति सर्वत्र सर्वं च मयि पश्यति । तस्याहं न प्रणश्यामि स च मे न प्रणश्यति ॥"*** (गीता.६.३०) म्हण्णुं श्री कृष्णालें आश्वासन आसा.

## (४७१). *वत्सरः* - कोणाल्यांतु सर्व कांय अधिष्ठित आसा.

जे परमात्माले अस्तित्वांतूचि सर्व अस्तित्व अभिप्रेत जाल्यां तेंचि कालाचे पार्श्वभूमीवयर विस्तारित जाल्यां. *"एतस्य वा अक्षरस्य प्रशासने गार्गी निमेषा, मुहूर्ता, अहोरात्राणि, अर्धमासा, मासा, ऋतवः, सवत्सरा इति विधृताः तिष्ठति ।"* - हे अक्षरतत्वाचे सत्तेन क्षण, कला, दिवस, रात्रि, शुक्ल आनी कृष्ण पक्ष, म्हयने, ऋतु, वर्ष आपआपण्याले जाग्यार आसताचि म्हण्णुं याज्ञवल्क्य ऋषी गार्गीक बृहदारण्यकोपनिषदांतु सांगता. देकून मनुष्यान ऋतुचे भ्रमणाबरोबर आनी अनंत ब्रह्माण्डांतु फिरचे तेजगोलका बरोबर स्वतःचे हृदयाचे स्पन्दन मेळोवनुं चलका. जेन्नां कर्म-धारा आनी काल-धारा हांचे अक्षरतत्वाबरोबर अनुसंधान मनुष्य करता तेन्नां अक्षरतत्वाचें सृष्टी-स्थिती-लय हांतूतले एकमेव सत्य दर्शन जाता.

## (४७२). *वत्सलः* - कोणाक भक्तांप्रति वात्सल्य भाव आसा, तो.

जे तरेन *वत्सरः* हें कालक्षेत्रांतले भगवद्दर्शन आसा तेचि तरेन *वत्सलः* हें भावक्षेत्रांतलो भगवंतालें दर्शन आसा. कालक्षेत्रापेक्षां भावक्षेत्र जास्त प्रभावी आशिल्यान तें नित्य क्षेत्र समजचांतु येता. भगवंताक भावनेचि भूख आसता. देकून जो मनुष्य परमात्मा आपण्यालें सर्वस्व म्हण्णुं माननुं भक्ति करता तोचि परमात्माक प्रिय आसा. *"ये तु धर्म्यामृतमिदं प्रोक्तमं पर्युपासते । श्रद्दधाना मत्परमा भक्तास्तेऽतीव मे प्रियाः ॥"* (गीता.१२.२०). तो नारदालागीं उद्गार काडता *"नाहं वसामि वैकुंठे योगिनां हृदये न च । मद्भक्ता यत्र गायन्ति तत्र तिष्ठामि नारद ।"*

## (४७३). *वत्सी* - जो भक्तांक प्रीतीन सांभाळता, तो.

भक्तांक सतत पालन, पोषण आनी रक्षण करचोचि जशें कांय परमात्मालो प्रत्यक्ष वात्सल्यभाव आनी गुणधर्म जावनुं आसा. भक्त ताका विसरल्यारियी तो भक्तांक विसरना.

## (४७४). *रत्नगर्भः* - जो अगणित ऐश्वर्यांचो स्वामी आसा, तो.

समुद्रमंथनांतल्यान चौदा रत्नं भायर आयलीं - लक्ष्मी, कौस्तुभ, पारिजात, सुरा, धन्वंतरी, चन्द्रमा, कामधेनु, ऐरावत, रंभा, उच्चैःश्रवा अश्व, शार्ङ्ग धनुष्य, शंख, हलाहल वीष आनी अमृत. हीं भगवंतालीं शक्तिचिंचि अविष्कार जाल्लीं रूपं आसाचि. प्रकाश आनी मायाशक्तीचो प्रतिबिम्ब हांतूत दिसून येता. हलाहल आनी अमृत, रंभा आनी लक्ष्मी, वज्रकठीन शंख आनी कोमल पारिजात हे थरेन दाहक आनी शामक, विनाशक आनी सर्जन शक्ति हे समुद्रमंथनांतु प्रगट जाताचि. मंथनाचे सुरवातीकचि विष्णून देवगणांक चेतावणी दिलिली - *"न भेतव्यं कालकूटाद्भयाज्जलधिसम्भवात् । लोभः कार्यो न वो जातु शेषः कामस्तु वस्तुषु ॥"* - कालकूट वीष आयलें म्हण्णुं भीव नाकाचि. तेंचि तरेन खंयचेयी वस्तूचो लोभ, रोष किंवा तृष्णा धरनाकाचि.

मनुष्यालो संसार बी अनंत सागरातरेन विस्तृत पसरिलो आसा. तांतूत बरे-वायटांचो वांटो आसा. कसलेयी स्पृहि अपेक्षा करनासताना भगवंतान दिलिलें सुख-दुःखांचो विवेक बुद्धीन स्वीकारनुं मनुष्यान आपण्यालें जीवन जगका - *"तेन त्यक्तेन भुंजीथा मा गंधं कस्यस्विद् धनम् ।"* श्री लक्ष्मदेवीन सुद्धां सर्वगुणश्रेष्ठ असलि निरपेक्षिता श्री विष्णु पोळोवनुं तागेले कार्यांतु सहधर्मिणी जालि. *"वव्रे वरं सर्वगुणैरपेक्षितं । रमा मुकुन्दं निरपेक्षमीप्सितम् ॥"*

**(४७४). धनेश्वरः - जो ऐश्वर्याचो स्वामी जालो, तो.**

श्री, लक्ष्मी ही धनाचि, ऐश्वर्याचि राणी. आनि ती सहधर्मिणी आशिल्यान भगवान् श्री विष्णु तिगेलो स्वामी जालो. ऐश्वर्य म्हळ्यार केवल धन-दौलत न्हंय. ऐश्वर्य म्हळ्यार ज्ञानबल, क्षात्रबल, संपत्तीबल आनी सेवाबल. मनुष्यान जर आपण्याक ईश्वरानुग्रहान प्राप्त जालिलें ज्ञान, बल, ऐश्वर्य आनी सेवाभावना ईश्वर कार्याखातीर उपयोजनेंतु हाडलें तर तें ज्ञान, बल, ऐश्वर्य आनी सेवा सार्थक जातालि. ऐश्वर्याचि शुद्धि जालिल्यानचि ऐश्वर्यवान् भगवंतालि कृपादृष्टी शाश्वत आसता.

*धर्मगुब्धर्मकृद्धर्मी सदसत्क्षरमक्षरम् ।*
*अविज्ञाता सहस्रांशुर् विधाता कृतलक्षणः ॥ ५१ ॥*

**(४७५). *धर्मगुप्* - जो धर्माचो रक्षक आसा, तो.**

श्री कृष्ण शाश्वत धर्मरक्षक म्हण्णुं गीतेंतु अर्जुन संबोधन करता - *"त्वमव्ययः शाश्वतधर्मगोप्ता"*. ऋग्वेदांतले *"त्रीणि पदा वि चक्रमे विष्णुर्गोपा अदाभ्यः । अतो धर्माणि धारयन् ॥"* (१.२२.१८) ही व्याख्या तें वचन अनुरोध करता. धर्मांचे तीन स्वरूपांचे - प्राकृतिक, नैतिक आनी आध्यात्मिक - शाश्वत रक्षण करचे खातीर भगवंत युगान युग अवतार घेत आसता.

भायरचे आनी भितरलें असले धर्मांचे दोन स्वरूपं आसून पयले स्वरूपाचो संबंध शास्त्र, कर्मकांड आनी आचारसंहितेंतल्यान व्यक्त जाता आनी भितरलें स्वरूप श्रवण, मनन आनी निदिध्यासान अभिज्ञात जाता. जेन्नां धर्मनियमांतु देश-काल-परिस्थितीक लागून आचार विचारांतु बदल आसचें अगत्य जाता, तेन्नां भगवंत शास्त्रांतु, कर्मकांडांतु आनी आचारसंहितेंतु नवीन संदर्भाक अनुरूप असलें परिवर्तन क्रान्तदर्शी साधु-संताले मुखांतर हाडयता. हें स्वयंकार्य निसर्गातरेन नित्य निरंतर चलत आसून धर्माचे नियमांतु नित्यनूतन असलें परिवर्तन हाडता.

**(४७६). *धर्मकृत्* - जो धर्माचो निमामक आसा, तो.**

धर्म हे विश्व निर्माण जाले उपरांत तें नियंत्रणेंतु दवरचे, समाजान काल-देशाक लागून घालनुं दिलिले सनातन नियम आसाचि. देकून जो योग-धर्मनियम पयलें भगवंतान विवस्वनाक दिलिलो तो समाजाचे बदलचे वातावरणाक म्हूण नाश जालो किंवा तांचे योग्य आचरण जालें ना. देकून व्यवहाराक लागून धर्मनियमांतु बदल करचें आवश्यक आशिल्यान भगवंत करता.

**(४७७). *धर्मी* - जो स्वतः धर्मस्वरूप आसा, तो.**

गीतेंतु श्री कृष्ण सांगता *"राजविद्या राजगुह्यं पवित्रमिदमुत्तमं । प्रत्यक्षावगमं धर्म्यं सुसुखं कर्तुमव्ययम् ॥"* (९.२). हे श्लोकांतले *'प्रत्यक्षावगमं धर्म्यम्'* हे शब्दांवयर भाष्य करताना की मध्वाचार्य म्हणतातचि *"प्रत्यक्षं ब्रह्म अवगम्यते येन तत् प्रत्यक्षावगमम् । अक्षेषु इन्द्रियेषु प्रति प्रति स्थितः इति प्रत्यक्षः ।"* - त्यांचे तरेन ब्रह्मज्ञान प्रत्यक्ष जाता तें प्रत्यक्षावगम. प्रत्येक इन्द्रियांक प्रेरित करताशिल्यान परमात्मा प्रत्यक्ष - *प्रति-अक्ष* - नेत्र-सादृश्य - जावनुं आसा. *"धर्मः भगवान् । तद्विषयं धर्म्यं । सर्वं जगत् धत्ते इति धर्मः । . . . प्रत्यक्षावगमशब्देन अपरोक्षज्ञानसाधनत्वं उक्तं ॥"* साक्षात् ब्रह्मज्ञानान विंगड सर्व कांय ज्ञात जाता.

**(४७९). *सत्* - जो सत्यस्वरूप भगवान् आसा, तो.**

श्री विष्णु सत्य जावनुं आसा. *"एक एवाद्वितीयोऽसावतः सर्वोत्तमत्वतः । मुख्यत्वादेव सन्नामा सततिज्ञानरूपतः । सत्यमिच्यते विष्णुः . . .।"* - श्री हरि अद्वितीय, व्याप्त, ज्ञानस्वरूप आनी सर्वांतु उत्तम आशिल्यान ताका सत्य म्हण्णताचि. *सत्* हो शब्द *अस्* हे धातुवयल्यान आयिलो आसून जो सदा सर्वदा आसता, तो *सत्य* आसा.

**(४८०). असत् - जें सत्यस्वरूप ना, तेंवी वस्तुतः तोचि आसा.**

*"द्वे वाव ब्रह्मणो रूपे मूर्तं चैवामूर्तं च । मर्त्यं चामृतं च । स्थितं च यच्च । सच्च त्यं च ॥"* - परमात्माले विलक्षण असली दोन रूपं - मूर्त आनी अमूर्त, जें नाश जाता आनी जें नाश जायना, चल आनी अचल, दृश्य आनी अदृश्य. परमात्मालें स्वरूप अद्वितीय आसा. गीतेंतु भगवंत म्हणता - *"ममैवांशो जीवलोके जीवभूतः सनातनः । मनःषष्ठानीन्द्रियाणि प्रकृतिस्थानि कर्षति ॥ शरीरं यदवाप्नोति यच्चाप्युत्क्रामतीश्वरः । गृहीत्वैतानि संयाति वायुर्गन्धानिवाशयात् ॥"* (१५.७-८). मुखारसरनुं श्री कृष्ण परत सांगता - *"गामाविश्य च भूतानि धारयाम्यहमोजसा । . . . द्वाविमौ पुरुषौ लोके क्षरश्चाक्षर एव च । क्षरः सर्वाणि भूतानि कूटस्थोऽक्षर उच्यते ॥ उत्तमः पुरुषस्त्वन्यः परमात्मेत्युदाहृतः । यो लोकत्रयमाविश्य बिभर्त्यव्यय ईश्वरः ॥ यस्मात् क्षरमतीतोऽहमक्षरादपि चोत्तमः । अतोऽस्मि लोके वेदे च प्रथितः पुरुषोत्तमः ॥"* (१५.१६-१८).

हे श्लोकांतु क्षर आनी अक्षर पेक्षां विंगड आनी उत्तम असलो पुरुष परमात्मा जावनुं आसा. जें नासदीय सूक्तांतु *'तत्'* म्हण्णुं निर्देशित जालें तेंचि *हिरण्यगर्भ* - क्षर-अक्षर जोड रूपांतु - आविष्कार पावलें. देकून *'तत्'* हें उत्तम पुरुष निदर्शन करत आसून हिरण्यगर्भ *"द्वाविमौ पुरुषौ लोके क्षरश्चाक्षर एव च"* आशिलें.

*"परमात्मा एकस्तथा सर्वभूतांतरात्मा रूपं रूपं प्रतिरूपो बहिश्च ॥"* (कठोपनिषद) - सर्व जीवांले अंतरात्मांतु एकमात्र परमात्मा आसून तो जीवांक तांग-तांगेले गुणधर्मांक लागून विंग-विंगड रूप दिता. *"मम योनिर्महद्ब्रह्म तस्मिन् गर्भं दधाम्यहम् । संभवः सर्वभूताना ततो भवति भारत ॥"* (गीता.१४.३). देकून परमात्मा आनी जीवात्मा बिम्ब-प्रतिबिम्ब रूपान भगवान् सत्-असत् आसा.

**(४८१). *क्षरम्* - जो व्यक्त आसता, तो.**
**(४८२). अक्षरम् - जो अव्यक्त आसता, तो.**

अक्षर - नित्य, अनादि, अनंत आनी स्वतंत्र आसून तें बिम्ब आनी क्षर - नित्य, अनादि, अनंत आसून पुनी अ-स्वतंत्र आशिल्यान तें प्रतिबिम्ब. ही दोन्निंयी एकचि परमात्माले रूपचि आसून तांका केन्नांयी विनाश ना.

**(४८३). अविज्ञाता - जो सामान्य बुद्धिक अगम्य आसा, तो.**

भगवंताले अपरोक्ष ज्ञान सहसा मनुष्यांक प्राप्त जायना. तागेले दर्शन तागेले अनुग्रहाक लागून, साधकाले तपप्रभावाक लागून आनी गुरूले आशीर्वादान प्राप्त जाता. *"न संदृष्टो तिष्ठति रूपमस्य न चक्षुषा पश्यति कश्चिदेनं । हृदा मनीषा मनसाऽभिक्लृप्तो य एनं विदुरमृतास्ते भवति ॥ यदा पंचावतिष्ठन्ते ज्ञानानि मनसा सह । बुद्धिश्च न विचेष्टति तमाहुः परमां गतिः ॥ नैव वाचा न मनसा प्राप्तुं शक्यो न चक्षुषा । अस्तीति ब्रुवतोऽन्यत्र कथं तदुपलभ्यते ॥"* (कठोपनिषद) - जें दोळ्यान दिसना तें केवल अंतःकरणांतु अभिप्रेत जाता. कोणाक तागेलो साक्षात्कार जाता तोचि

अमर जाता. जेन्नां पंचेन्द्रियं आनी मन स्तब्ध आसता ; बुद्धिबी अचल आसता तेन्नां ते स्थितीक परम गति म्हणताचि. जेन्नां शब्दान, मनान, दृष्टीन तागेले अकलन जायना तेन्नां *तें आसा म्हळ्ळें* शिवाय विंगड पर्याय उरना.

(४८४). ***सहस्रांशु:*** **- जो अनेक रीतीन अभिप्रेत जाता, तो.**

*"यद्यद्विभूतिमत्सत्वं श्रीमदूर्जितमेव वा । तत्तदेवागच्छ त्वं मम तेजोंऽशसम्भवम् ॥. . . विष्टभ्याहमिदं कृत्स्नमेकांशेन स्थितो जगत् ॥"* (गीता.१०.४१-४२). परमात्माले तेजाचो एक अंश सृष्टींतु अनेक रीतीन, सर्व दिकान कणकणांतु दिसून येता. *"अहमात्मा गुडाकेश सर्वभूताशयस्थित: । . . . ."*(१०.२०) *"सर्वत:पाणिपादं तत्सर्वतोऽक्षिशिरोमुखम् । सर्वत: श्रुतिमल्लोके सर्वमावत्य तिष्ठति ॥"* (१३.१४). *"यो मां पश्यति सर्वत्र सर्वं च मयि पश्यति । . . ."* (६.३०).

(४८५). ***विधाता*** **- जो सर्वतरेन धारण, रक्षण करता, तो.**

सृष्टीचो आधार धर्मावयर आशिल्यान परमात्माक् विश्वाचे नियम विशेष रीतीन पुनर्स्थापन करचें पडता.

भौतिक जीवनाचो उत्कर्श स्मृति-पुराणांतु घालनुं दिलिले यम-नियमांचे पालन रूढ पद्धतीन केलिल्यान् जायना. यम-नियमांचे सूक्ष्म तत्वज्ञान समजिल्यानचि धर्माचें धारण जाता. तेन्नांचि परमात्मालें *विधाता* नावांचो गूढार्थ समजता. देकून सनत्कुमार नारदाक सांगताचि, जेन्नां तूं नांवावयर मात्र अवलंबून आसता तेन्नां जें तूं जाणता तें केवल स्थूल नाम; जेन्नां ते नांवाचे पेल्तडेन अशिलें सूक्ष्म ब्रह्मतत्व तूं जाणता तेन्नांचि तुका सर्व ज्ञान प्राप्त जाता.

(४८६). *कृतलक्षण:* - जो विशेष लक्षणं रचयता, तो.

स्वत:चे नित्य, निश्पन्न आनी चैतन्य असले विशेष रूपान तो लक्षणवंत आसा. आनी तेचि तरेन विश्वांतले दर एक वस्तुंक विंग-विंगड लक्षणं दीवनुं तांगेल्यांतले वैशिष्ट्य तो प्रत्यक्षांतु हाडता.

***गभस्तनेमि: सत्वस्थ: सिंहो भूतमहेश्वर: ।***
***आदिदेवो महादेवो देवेशो देवभृद्गुरु: ॥ ५२ ॥***

(४८७). *गभस्तिनेमि:* - जो प्रकाशाचें केन्द्रस्थान जावनुं आसा, तो.

भगवंतालें स्वरूप नक्षशिस्वांत प्रकाशित आसा. विश्वांतु व्यक्त जालिले वस्तूंतु तागेले अंश आसून तांगेले कर्मकार्य परमात्माले प्रकाशान प्रभावित जालिलीं आसाचि. पुण हो प्रकाश सूर्य किरणांतरेन स्थूल नासताना अंत:करणांतु स्फुरण जावचे ज्योति स्वरूप आसा. *"हिरण्मये परे कोशे विरजं ब्रह्म निष्कलम् । तच्छुभ्रं ज्योतिषां ज्योति: तद्यदात्मविदो विदुं ॥ न तत्र सूर्यो भाति न चन्द्रतारकं नेमा विद्युतो भांति कुतोऽयमग्नि: । तमेव भांतमनु भाति सर्वं तस्य भासा सर्वमिदं विभाति ॥"* (मुण्डकोपनिषद). ब्रह्माण्डांतु आशिले भौतिक सूर्य जे तरेन किरणांचे समूह जावनुं आसा ते तरेन आध्यात्मिक परमात्मा तेज आनी प्रकाशाचें केन्द्रस्थान जावनुं आपण्यालोचि असलो प्रकाश फैलायता. वास्तविक श्री विष्णु सहस्रनामांतली सर्व नांवं प्रकाश आनी तेजाचेंचि दर्शन दिताचि.

(४८८). *सत्वस्थ:* - जो शुद्ध सत्वाचे अधिष्ठान आसा, तो.

शुद्ध सत्व हे भगवंतालो स्वभाव जावनुं आसा. *"सत्वं निर्मलत्वात्प्रकाशकमनामयम् ।"* म्हण्णुं गीतेंतु (१४.६) सांगिल्ले आसा.

(४८९). *सिंह:* - जो अति पराक्रमी जावनुं आसा, तो.

जे तरेन ज्योति तेजाचें प्रतीक आसा तेचि तरेन सिंह पराक्रमाचें प्रतीक म्हण्णुं ऋग्वेदांतु वापरचांतु आयल्यां. *"प्र तद्विष्णुः स्तवते वीर्येण मृगो न भीमः कुचरो गिरिष्ठाः ।"* (१.१५४.). हिरण्यकशिपुलें नाश करताना विष्णु नर-सिंहालें रूप धारण करता. विष्णु पुराणांतु सांगल्या - *"अवशेनापि यन्नाम्नि कीर्तनं सर्वपातकैः । पुमान् विमुच्यते सद्यः सिंहत्रस्तेर्वृकैरिव ॥"* - सिंहाले अवाज आयकल्लिले जनांवरं भयान धांविले तरेन भगवान् विष्णुलें आकस्मिक नामोच्छारानबीं मनुष्यालीं सर्व पापं दूर धांवताचि. *"प्रलयं हि गमिष्यन्ति श्रीमद्भागवतध्वनेः । क्लेदोंषा इमे सर्वे सिंहशब्दात् वृका इव ॥"* म्हण्णुं भागवत पुराण सांगता.

**(४९०). *भूतमहेश्वरः* - जो सर्व प्राणिंलो श्रेष्ठ स्वामी आसा, तो.**

जीवजीवांक परमात्मान पृथ्वी, आप, तेज, वायू आनी आकाश, हे पंचप्राकृतिक गुणांपासून निर्माण करनुं तांगेलो अधिपति जाल्लिो आसा. *"पुरुष एवेदं यद् भूतं यच्च भव्यम् । उतामृतत्वस्येशानो यद् अन्नेनातिरोहति ॥"* (ऋग्वेद.१०.९०.३). तार्णे धारण केल्लिलें परम सूक्ष्म मानव शरीर मूर्ख जन जाणनांचि. *"अवजानान्ति मां मूढा मानुषीं तनुमाश्रितम् । परं भावमजानन्तो मम भूतमहेश्वरम् ॥ . . . समं सर्वेषु भूतेषु तिष्ठन्तं परमेश्वरम् ।"* (गीता. ९.११; १३.२८)

**(४९१). *आदिदेवः* - जो सर्वां पयलो देव आसा, तो.**

*"हिरण्यगर्भः समवर्तताग्रे भूतस्य जातः पतिरेक आसीत् ।"* म्हण्णुं वेदांतु सांगल्यार गीर्तेतु श्री कृष्णाक अर्जुन *"त्वमादिदेवः पुरुषः पुराणः"* म्हण्णुं संबोधन करता.

**(४९२). *महादेवः* - जो सर्व देवांतु महान् दिव्य पुरुष आसा, तो.**

देव शब्द *'दिव्'* - प्रकाश दिवचें हे धातुवयल्यान आयिलो आसून देवांलो देव, महादेव म्हळ्यार महान् दिव्य, महान् प्रकाश पसरावचो पुरुष. वास्तविक देव दर एक इन्द्रियाचे अभिमानी दैवत जावनुं ते ते इन्द्रियांक प्रभावित करताचि. श्री विष्णु ते सर्व देवांलो प्रधान दैवत आशिल्यान तो *'ज्योतिषां ज्योतिस्वरूप'* आसा. तागेले मायाशक्तिपासून तो स्वतः अलिप्त राबुनु ते शक्तीन तो मनुष्यांले मनांवयर आवरण घाल्ता.

**(४९३). *देवेशः* - जो सर्व देवांलो अधिपति जावनुं आसा, तो.**

सर्व देव श्री विष्णपरमात्माले तेजांश आसून तोचि सर्वांतु श्रेष्ठ आसा. श्री कृष्णाले शरीरांतु जेन्नां अर्जुन अनेकानेक देव पळयता तेन्नां तो उद्गार काडता - *"पश्यामि देवांस्तव देव देहे सर्वांस्तथा भूतविशेषसंघान् । ब्रह्माणमीशं कमलासनस्थं ऋषींश्च सर्वनुरगांश्च दिव्यान् ॥"* (गीता.११.१५).

**(४९४). *देवभृद्गुरुः* - देवांलोबी जो पोशक आनी ज्ञानप्रवर्तक आसा, तो.**

आदिदेवान सृष्टी सयत देवांलिबी आपण्याले अंशरूपान निर्माण आनी शक्ति आनी ज्ञान प्रदान करनुं आपण्याले विश्वनिर्मितीचे संकल्प कार्यांतु निमित्त साधन केलें. ऋषी प्रार्थन करता - *"यो ब्रह्माणं विदधाति पूर्वं यो वै वेदांश्च प्रहिणोति तस्मै । तं ह देवमात्मबुद्धिप्रकाशं मुमुक्षुर्वै शरणमहं प्रपद्ये ॥"* (श्वेताश्वतरोपनिषद) - सृष्टीनिर्माण करचे पयलें चतुर्मुख ब्रह्माक निर्माण, वेदांचे ज्ञान, आत्मबुद्धीप्रकाश दिवचे परमात्माक हांवु - मुमुक्षु - शरण वतां.

*उत्तरो गोपतिर्गोप्ता ज्ञानगम्यः पुरातनः ।*
*शरीरभूतभृद्भोक्ता कपीन्द्रो भूरिदक्षिणः ॥ ५३ ॥*

**(४९५). *उत्तरः* - जो ऊर्ध्वस्वरूप, प्रगतीशील आसा, तो.**

परमात्मांतु अभय, आनंद आनी मुक्ति पूर्णतायेन आशिल्यान तागेलें स्वरूप ऊर्ध्वमुख आसा. तो भक्तजनांले प्रगतीचो प्रवर्तक आनी संसाराचो तारक आसा. देकून तागेले दिकान साधक आर्ततेन द्रिश्टी लावनुं आसताचि.

भगवंताले षड्गुणं - ज्ञान, शक्ति, बल, ऐश्वर्य, पराक्रम आनी तेज - प्रकृतिजन्य नासताना तागेले मूल स्वभाव आसाचि. ते वैभवाचे अपरोक्षज्ञान संपादनेन साधकाले आध्यात्मजीवनांतु प्रगति येता. परमात्मालें चिन्मय धाम, परम पद, वैकुंठ प्राप्त जाता.

### (४९६). *गोपतिः* - जो प्रकाशाचो किंवा पृथ्वीचो स्वामी आसा, तो.

*गो* - म्हळ्यार प्रकाशाचें किरण, पृथ्वी किंवा गाय म्हण्णुं वापरचांतु येता. प्रकाश हो भगवंतालें प्रगट स्वरूप आशिल्यान तेंचि जास्त सार्थक आसा. प्रकाशाचो प्रवर्तक किंवा अधिपति आशिल्यान विष्णु *गो-पतिः* आसा. हें विश्व तागेले आधिपत्यासकयल आशिल्यान तो *गो*, पृथ्वीचो अधिपति. भागवत पुराणांतु पृथु राजा मुखार पृथ्वी गायीचें रूप घेवनुं येता. पुराणांतु श्री कृष्ण आनी गायीलो संबंध लागींचो आशिल्यान कृष्णाक *गोपतिः* किंवा *गोविन्दः* म्हणोवनुं घेवचांतु आयलो.

### (४९७). *गोप्ता* - जो विश्वाचे रक्षणकर्ता आसा, तो.

विष्णून विश्वाचें निर्माण केले नंतर तो पृथ्वीचें रक्षण करता. कूर्मावतारान अंधतम रसातळांतु आशिले पृथ्वीक वयर हाडता. *"द्वितीयं तु भवायास्य रसातलगतां महीम् । उद्धरिष्यिन्नुपादत्त यज्ञेशः सौकरं वपुः ॥"* भगवंतालो अवतार साधुंले संरक्षण आनी असुरांलो संहार करचें खातीर आसता.

पृथ्वीचि साधना ही मनुष्यांतलि पशुवृत्ती नाश करचि साधना आसा. मनुष्याले इन्द्रियांचे आकर्शणान विषयवासनेंतु आसक्त जावनुं मनुष्य अंधतम रसातळांतु वता. ते रसातळांतल्यान वयर येवचें हेंचि मनुष्याले आध्यात्मिक साधनेचें उत्थान आसा.

### (४९८). *ज्ञानगम्यः* - जो ज्ञानाचे मुखांतर जाणचांतु येता, तो.

*'नित्यानित्यविवेकः'* ही ज्ञानपथावयरचि पयली पायरी. *"ज्ञानमात्रं परं ब्रह्म परमात्मेश्वरः पुमान् । दृश्यादिभिः पृथग्भावैर्भगवानेक ईयते ॥"* म्हण्णुं भागवत पुराणांतु सांगल्यां. *"आत्मा वा अरे दृष्टव्यः श्रोतव्यो मंतव्यो निदिध्यासितव्यः ।"* म्हण्णुं बृहदारण्कोपनिषद सांगता. हीं ज्ञानपथावयरचि पायचो आसाचि. *"न हि ज्ञानेन सदृशं पवित्रमिह विद्यते ।"* (गीता.४.३८). श्री मध्वाचार्य सांगताचि *"अतो परोक्ष ज्ञानादेव मोक्षः । कर्म तु तत्साधनम् ॥"* (गीताभाष्य) , म्हण्णुं ज्ञानमार्गाचि प्रशंसा केल्लिली आसा.

### (४९९). *पुरातनः* - जो प्राचीन कालापासून आसा, तो.

वेदांतले सर्व ऋषींक पुरातन परमात्माले विषय ना सुटचो एक प्रश्न जावनुं आशिलो. *"को अद्धा वेद क इह प्र वोचत्कुत आजाता कुत इयं विसृष्टिः । अर्वाग्देवा अस्य विसर्जनेनाऽथा को वेद यत आदभूव ॥"* (ऋग्वेद.१०.१२९.६) - कोण हें जाणता, कोण तें सांगू शक्ता ? कशें तें सर्व जल्माक आयलें, कोणें हें सर्व निर्माण केलें ? तो दिव्य पुरुष सृष्टी सयत आयलोवे ? पुण सर्व देव तर तागेले नंतर आयले ! तेन्नां कोण आमकां सांगू शक्ता, हें सर्व केन्नां जल्माक आयलें ?

तो पुरुषोत्तम परमात्मा सर्व देव, दानव आनी मनुष्यांपयले आसून तोचि सर्वांलो अतंर्यामि आसा. तोचि एकमात्र स्वतंत्र आसून विंगड सर्व तागेले शक्तिन प्रभावित आनी सर्जन जाताचि.

### (५००). *शरीरभूतभृत्* - जो शरीरधारी आनी भूतजातीचो पालक आसा, तो.

भौतिक शरीर निर्माण जाले कीं सृष्टीचो वेव्हार सुरु जायना. साधन प्राप्त जालें म्हण्णुं लक्ष्य साध्य जायना. साधन क्रियाशील जावचे ख्यातीर भगवद्शक्तीचि प्रेरणा जरूर आसता. *"उर्ध्वं प्राणम् उन्नयति अपानं प्रत्यगस्यति । मध्ये वामनं आसीनं विश्वे देवा उपासते ॥"* (कठोपनिषद) - देकून वामनरूपान विष्णु जीवांले हृदय प्रवेश करनुं तांका प्रेरित करता.

## (५०१). *भोक्ता* - जो भोग घेता, तो.

विश्वांतु सर्वांतर्यामि जावनुं आशिलो परमात्मा *'भर्ता'* आनी *'भोक्ता'* बी आसा. *"अहं हि सर्वयज्ञानां भोक्ता च प्रभुरेव च । (९.२४) . . . उपद्रष्टानुमन्ता च भर्ता भोक्ता महेश्वरः । परमात्मेति चाप्युक्तो देहेऽस्मिन्पुरुषः ॥"* (गीता.१३.२३) - सर्व यज्ञांतलि आहुति भक्षण करचो आनी ताजो स्वामी हांवूचि आसा . . .जो पळ्यता, अनुमोदन करता, पोषण करता, भोक्ता, महेश्वर आनी परमात्मा आसा, तो परम पुरुष हेचि शरीरांतु आसा.

## (५०२). *कपीन्द्रः* - जो सूर्य किरणांचो स्वामी आसा, तो.

*'वृष्'* म्हळ्यार वर्षण करचें आनी आनी *'कपि'* म्हळ्यार सूर्यकिरणं, देकून विष्णुक *वृषाकपि* म्हण्णुं संबोधन करचांतु येता. तो सूर्यकिरणांचो स्वामी आशिल्यान तो *कपीन्द्र* आसा. श्री विष्णु सूर्यरूपान संसारांतु तेजस् आनी ओजस् पसरायता.

पृथ्वीक रसातळांतल्यान हाडिले वराहाकवी *कपि* म्हणचांतु येता. सर्व काल क्षुब्ध आसचे समुद्रांतल्यान पृथ्वीक भायर काढनुं चिन्मय सृजनशील स्थिर स्थान प्रदान करचें महान् कार्य श्री विष्णून केल्लिं आसा.

## (५०३). *भूरिदक्षिणः* - जो महान् दानी आसा, तो.

अनंत शक्ति आनी ऐश्वर्याचो भाण्डार भगवंत आसा. तागेले अनंत अभय हातांतल्यान अनुग्रहाचो वर्षाव जात आसता. असूरी प्रावृत्तींतल्यान भक्तांक सुटकारो दीवनुं तांगेले वयर सुख-समृद्धीचो वरद हस्त दवरता.

अभय आनी वरद अनुग्रहाचि परत फेड म्हण्णुं भगवंत भक्तांले केवल प्रेम आनी अनन्य श्रद्धेचि अपेक्षा करता. *"यत्करोषि यदश्नासि यज्जुहोषि ददासि यत् । यत्तपस्यसि कौन्तेय तत्कुरुष्व मदर्पणम् ॥"* (९.२७). *"मन्मना भव मद्भक्तो मद्याजि मां नमस्कुरु । मामूवैष्यसि युक्त्वैवमात्मानं मत्परायणः ॥"* (९.३४). *"सर्वधर्मान्परित्यज्य मामेकं शरणं व्रज । अहं त्वा सर्वपापेभ्यो मोक्षयिष्यामि मा शुचः ॥"* (१८.६६) - गीतेंतले असले अनेक वचनांनी भगवंतान भक्तांपासून आसचि अपेक्षा दाखोवनुं दिल्लिी आसा.

भागवत पुराण ती अपेक्षा पूर्ण करचो सुलभ उपाय दाखयता. - *"तव कथामृतं तप्तजीवनं कविभिरीडितं कल्मषापहम् । श्रवणमङ्गलं श्रीमदाततं भुवि गृणन्ति ते भूरिदा जनाः ॥"* देवालें नामामृत त्रासिले जीवनाक नवचैतन्य दिता; कवीली स्तुती सर्व पापं नाश करता. आयकतल्यांले अंतःकरण मंगल जाता. आनी स्तोत्र आयकवतालो महादानी आसता.

> *सोमपोऽमृतपः सोमः पुरुजित्पुरुसत्तमः ।*
> *विनयो जयः सत्यसंधो दाशार्हः सात्वताम्पतिः ॥ ५४ ॥*

## (५०४). *सोमपः* - कोणाक यज्ञांतु सोमरस पीता, तो.
## (५०५). *अमृतपः* - कोणाक अमृत अर्पण करचांतु येता, तो.

हीं दोन नांवं लागीं-लागीं दवरचें योग्य आसा. सोमरसा विषय अनेक अर्थ-अनर्थ कल्पना करचांतु आयल्याचि. सोम म्हळ्यार सोम नावांचि वनस्पति, चन्द्र, किंवा साधनेचे समाप्तीनंतर मेळचो स्वानंद म्हण्णुं अर्थ

आसून केवल मादक रस न्हंय. ऋग्वेदांतले णव्वे मंडलांतु सोम विशय सूक्तं आसून तांका पवमान सूक्तं म्हण्णुं संबोधन केल्लें आसा. कारण पवमान सूक्तं पावनकारी आसताचि.

स्थूल सोमरसान मेळचे विषयानंदापेक्षां अपरोक्षज्ञान साधनेक लागून मेळचो आध्यात्मिक आनंद जास्त श्रेष्ठ आसून सोमरसान मेळचो विषयानंद केवल सूक्ष्म प्रतीक म्हण्णुं वेदांतु वापरचांतु येता. जे कोणांक हे गूढार्थाचि समज ना तांका सोमरस एक मादक पदार्थ आसा. पुण ज्ञानी मनुष्याक ताजो यथार्थ समजता. *"सोमम् मन्यते पपिवान् यत् संपिषन्ति ओषधीम् । सोमम् यं ब्राह्मणो विदुः न तस्याश्नति कश्चन ॥"* - सोमवल्ली वांटिले मनुष्याक दिसता कीं तार्णे सोमपान केलें, पुण सोमरस पियचें रहस्य केवल ब्रह्मज्ञानी जाणताचि. सोमपान करचें म्हळ्यार सात्विक आध्यात्मिक आनंद घेवचें. पूर्ततायेन मेळचो आल्हाद, देळ्यांतले अश्रु आनी अंतःकारणांतलो आनंद, शरीरावयरचो रोमांच तसले सात्विक भाव पूर्ततायेन येवचे अक्षय आनंदाचे प्रतीक जावनुं आसाचि.

तेचि तरेन अमृत हो अमरत्वाचो अनुभव. जेन्नां मनुष्याक आपण्याले निजस्वरूपाचो अनुभव जाता तेन्नां ताका आपूण अनित्य आनी विनाश जावचे शरीर नासताना नित्य आनी अमर असलो आत्मानुभव जाता. आपण्याले आत्म्यांतु परमात्मालें प्रतिबिम्ब पोळोवनुं आपण्यालें अस्तित्व परमात्मातरेन अजन्मा, अविनाशी, नित्य आसा म्हण्णुं जाणता. जे तरेन प्रतिबिम्बाक स्वतंत्र अस्तित्व नासताना तें बिम्बावयर अवलंबून आसा, आपण्यालें निजस्थान आनी निजधाम परमात्मालें सान्निध्यातूंचि आसू शक्ता स्वयंत्रतायेन न्हंय - असलें ज्ञान ताका प्राप्त जाता. हे तरेन जीवाक स्वतःचें निजस्वरूपाचें ज्ञान मेळचि हीचि मुक्ति किंवा मोक्ष जावनुं आसा.

सर्व साधारण *'सोमपः'* *'अमृतपः'* हे शब्दांचो अर्थ जो सोमरस किंवा अमृत पिता, म्हण्णुं करताचि. हें योग्य न्हंय. जो पुरुष स्वतः सात्विक आनंदस्वरूप आसा ताका आनंद दिवचाक तागेलोचि अंश जावनुं आशिलो सोमरस कित्तें कामाचो ? जो पुरुष स्वतः अजन्मा, अविनाशी, नित्य आसा ताका अमृतत्व दिवचाक तागेलोचि अंश जावनुं आशिलें अमृत कित्तें कामाचें ? देकून स्थूल सोमरस पिलिल्यान मेळचे आनंदाचे उदाहरणेन अध्यात्मिक परमानंदाचि कल्पना दिवचि अजून संसारांतले विषयासक्तेन प्रभावित जावचे साधकांस्वातीर आसा. जेन्नां भक्त आपण्यालो परमानंद परमात्माक हवारूपान अर्पण करता, तेन्नाचि तो *'सोमपः'* *'अमृतपः'* जाता. *"यश्चायमस्यां पृथिव्यां तेजोमयोऽमृतमयः पुरुषो यश्चायमध्यात्मं शरीरस्तेजोमयोऽमृतमयः पुरुषोऽयमेव स योऽयमात्मा । इदममृतं । इदं ब्रह्म । इदं सर्वं ।"* (बृहदारण्यकोपनिषद).

हे आनी ताजे नंतरचे मंत्रावयर भाष्य करताना श्री मध्वाचार्य स्पष्टायताचि *"सुखदा सर्वभूतानां पृथ्वी मधुवदुच्यते । पृथिव्याश्चैव भूतानि तथा सर्वाश्च देवताः । पृथिव्यादिषु देवेषु शरीरादिषु च स्थितः । एक एव परो विष्णुः हयशीर्षस्वरूपधृत् । अनंततेजा नित्यश्च स एव ब्रह्म सर्वगं । तदेव गुणपूर्णत्वाद् ब्रह्म सर्वमनूनतः । आत्मनामा परो विष्णुः सर्वगो यः प्रकीर्ततः । स एव हयशीर्षाख्यस्त्वपिदैवादिषु स्थितः ।"* - सर्व भूतजातीक सुख दीत आशिल्यान पृथ्वीक, जीव आनी अभिमानी देवतांक मधु म्हण्णुं उल्लेख करताचि. पृथ्व्यादि देवतेंतु आनी मनुष्याले शरीरांतु हयग्रीवरूपान सर्वोत्तम परमात्मा श्री विष्णु आसता. अनंत तेजाचो, नित्य, सर्वत्र व्यापून आसचो ब्रह्म तोचि. गुणपूर्ण आनी सर्व व्याप्त आशिल्यान तो ब्रह्म, सर्व आनी आत्मा म्हणोवनुं घेता.

### (५०६). *सोमः* - जो परमानंद स्वरूप आसा, तो.

*"रसो वै सः ।"* म्हण्णुं विष्णुलें वर्णन करचांतु येता. गीतेंतु (१५.१३) श्री कृष्ण सांगता *"पुष्णामि चौषधीः सर्वाः सोमो भूत्वा रसात्मकः ॥"*

### (५०७). *पुरुजित्* - जो अनेक पुरुषांलो विजेता आसा, तो.

सृष्टीचे पयलें प्रथम परमात्मा एकलोचि आसून जीवजगत् वयर अधिपत्य करता. *"यो नः पिता जनिता यो विधाता धामानि वेद भुवनानि विश्वा । यो देवानां नामधा एक एष तं संप्रश्नं भुवना यन्त्यन्या ॥"* (ऋग्वेद.१०.८२.३) - जो आमगेलो पिता, जन्मदाता आनी पालक जावनुं आसा, जो विश्वाचे सर्व दिशा जाणता, जो एकमात्र आसून विंग-

विंगड देवांले नांव धारण करता तागेले विषय विश्वाचे अन्य जन चिन्तन करताचि. अनेक जीवांतु प्रवेश करनुं 'अहं' भावनेन तो सर्वांवयर प्रभुत्व स्थापित करता. देकून *"स सर्वगुणसंपूर्णः सर्वदेशेषु सर्वदा । स्वतंत्रः सर्ववस्तूनि तदधीनानि सर्वशः ॥ पूर्णत्वात् सुरूपोऽसौ सर्वकर्ता सुरूपतः । कर्तृत्वात् सुस्थिरश्चासौ स्थिरत्वादास्तिकस्तथा ॥ अस्तिकत्वाच्च मंताऽसौ विज्ञाता च ततो हरिः । ज्ञातृत्वाच्च स निर्दोषः सर्वस्यापि नियामकः ॥"* म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य श्री विष्णुलें वर्णन करताचि.

## (५०८). *पुरुसत्तमः* - जो सर्व पुरुषांतु उत्तम पुरुष आसा, तो.

*"पश्य मे पार्थ रूपाणि शतशोऽथ सहस्रशः । नानाविधानि दिव्यानि नानावर्णाकृतीनि च ॥"* म्हण्णुं श्री कृष्ण आपण्याले अनंत रूपां मागशीं आसचें *"एकमेवाद्वितीयम्"* असलें अव्यय स्वरूप दाखयता. *"एकम् एव अ-द्वितीम्". "एक एवाद्वितीयो भगवान् तत्सदृशः परो नास्ति ।"*

श्री मध्वाचार्य भगवंताले अद्वितीय स्वरूपावयर स्पश्टीकरण दिताचि. *"इहेति परमेश्वररूपेषु अवयवेषु धर्मेषु च किंचन नाना नास्तीत्यर्थः । . . . यथैकमुत्तमपुरुषमपेक्ष्य तस्मिन् पुरे स एक एव नान्योऽस्तित्युक्तेऽपि तत्सदृशस्तदधिको वाऽन्यो नास्तीत्युक्तं भवति ॥ एक एवाद्वितीयोऽसौ तदतंत्रस्य वर्जनात् । तत्समस्याधिकस्यापि ह्यभावात् पुरुषोत्तमः ॥"* - इह म्हळ्यार परमेश्वराले रूपांतु किंवा तागेले अवयवांतु, धर्मांतु कसलोयी भेद ना. . . जे तरेन उत्तम पुरुषालें आदर्श नदरेंतु दवरनुं गांवांतु तो एकलोचि आसा दुसरे कोणिंयी नांचि म्हणताचि, तागेले समान किंवा तागेले पेक्षां श्रेष्ठ कोणियीं नांचि म्हण्णुं अर्थ करताचि, ते तरेन हांगा अर्थ करका. ताजे शिवाय कोणियी स्वतंत्र, सम किंवा श्रेष्ठ नाशिल्यान तो पुरुषोत्तम किंवा पुरुसत्तम जावनुं आसा. *"अशरीरं शरीरेषु अनवस्थेषु अवस्थितम् । महान्तं विभुम् आत्मानं मत्वा धीरो न शोचति ॥"* (कठोपनिषद).

## (५०९). *विनयः* - जो विशेषरीतीन नियमांचे पालन करता, तो, किंवा कोणांक अहंकार ना, तो.

ऋतु-धर्म, प्रकृतीचे नियमं हीं जीव आनी प्रकृतींतले दर एक वस्तु नियंत्रित करचे खातीर आसताचि. जनांक आदर्श आनी लोककल्याणा खातीर घालनुं दिल्लिलीं नियमं स्वतः पालन करता. कारण *"यद्यदाचरति श्रेष्ठस्तत्तदेवेतरो जनः । स यत्प्रमाणं कुरुते लोकस्तदनुवर्तते ॥"* (गीता. ३.२१). श्री मध्वाचार्य गीतातात्पर्यांतु सांगताचि - *"ममैव केवलं नास्ति केनाप्यर्थः तथाप्यहम् । कर्मकृत् लोकरक्षामै तस्मात् कुर्वीत मत्परः ॥"* हे तरेन धर्माचरणाचो आदर्श जनांमुखार दवरताना मर्यादा पुरुषोत्तम श्री रामाक किंवा पूर्णावतारी श्री कृष्णाक कमीपणाचो भास जायना. मनुष्य विनयशील आसा म्हण्णुं तागेले महत्व कमीं जायना. *"नयस्य विनयो मूलं विनयः शास्त्रनिश्चयः । विनयो हीन्द्रियजयस्तद्युक्तः शास्त्रमृच्छति । तन्निष्ठस्य हि शास्त्रार्थाः प्रसीदन्ति ततः परम् ॥"* - नीतीशास्त्राचें तत्वज्ञानाचें मूल विनयांतु आसा. विनयाक लागून इन्द्रियांचें नियंत्रण आनी शास्त्राचें ज्ञान मेळ्ता. जेन्नां इन्द्रिय नियंत्रणेन मनावयर विजय मेळ्ता तेन्नां शुद्ध, पवित्र आनी पावन जालिले मनांतु शास्त्रांचे सत्य प्रकाश पसरता. *"स संनयः स विनयः पुरोहितः । स सुष्टुतः स युधि ब्रह्मणस्पतिः ॥"* (ऋग्वेद.२.२४.९).

## (५१०). *जयः* - जो सर्व संदर्भांतु विजय मेळ्यता, तो.

विश्वांतले दर एक निर्मिती परमात्मालें भगवंताले नियंत्रणे सकयल आशिल्यान ताका कसल्यावयरियी विजय प्राप्त करचें आसना. तो स्वतः जयस्वरूप आसा. जे कोणें ते परमात्माक आपण्याले अंतःकरणांतु स्थापन केल्यां तांका पराजय केन्नांयी ना. *"लाभस्तेषां जयस्तेषां कुतस्तेषां पराजयः । इन्दिवरः श्यामः हृदयस्थो जनार्दनः ॥"*

## (५११). *सत्यसन्धः* - कोणांलो संबंध किंवा संधान सत्यस्वरूप आसा, तो.

परमात्मा आनी जीवात्मांतलो संबंध आनी संधान सत्याक लागून आसता. सत्य हेंचि अस्तित्व आसा. सत्य शब्दाचें विश्लेषण छांदोग्योपनिषद केलिलो आसा. *"तानि ह वा एतानि त्रीण्यक्षराणि सत् ति यमिति । तत् यत् सत् तदमृतं । अथ यत् ति तन्मर्त्यम् । अथ यत् यं तेनोभे यच्छति । यदनेनोभे यच्छति तस्माद्यमहरहर्वा एवंवित् स्वर्ग लोकमेति ॥ अथ य आत्मा स सेतु र्विधृतिरेषां लोकानामसंभेदाय । नैतं सेतुमहोरात्रे तरतः । न जरा । न मृत्युः । न*

*शोकः । न सुकृतं । न दुष्कृतं । सों पाप्मानोऽतो निवर्तते । अपहत पाप्मा ह्येष ब्रह्मलोकः ।"* - सत्य शब्दांतु *'सत्'*, *'ति'*, आनी *'यं'* हे तीन अक्षरं आसून *'सत्'* अमृतत्व, *'ति'* मर्त्यत्व आनी *'यं'* परमात्माक निदर्शन करता. परमात्मा अमृतत आनी मर्त्यत्व नियंत्रित करता. जे जन् हे परमात्मालि उपासना करताचि तेचि स्वर्गलोक प्राप्त करताचि. हो परमात्मा सर्व लोकांलो आश्रयस्वरूप सेतु आसा. तागेले सान्निध्यांतु रात्र-दीस ना, म्हांतारपण ना, मरण ना, दुःख ना, पाप ना, पुण्य ना. ब्रह्मलोक पापरहित आशिल्यान थंय सर्व पापं नाश जाताचि. हे तरेन परमात्मा सत्यसंधान करता.

## (५१२). *दाशार्हः* - कोणें प्राणवायु वश केल्लिो आसा, तो.

*दाशार्ह* हे नांवांचो अर्थ समजचाक योगशास्त्राची मदत घेवचि पडता. *'दाश'* म्हळ्यार मासळी मारताले जन. पुण योगशास्त्रांतु *मत्स्य* - मासळी प्राणवायूचें प्रतीक जावनुं आसा. हे मत्स्याविशय योगशास्त्रांतु सांगल्या - *"गंगा यमुनयोर्मध्ये मत्स्यौ द्वौ चरतः सदा । तौ मत्स्यौ भक्षयेत् यस्तु स भवेत् मत्स्यभक्षकः ॥"* हांगा गंगा-यमुना म्हळ्यार *इंडा-पिङ्गला* नाडी आसून आनी तांचे मर्दें आसचे प्राणवायूक *मत्स्य* संबोधिताचि. जो साधक ते प्राणवायूक वश करता तोचि योगी आसता. देकून *"दाशैः अर्हणं पूजनं नयति इति दाशार्हः ।"*

## (५१३). *सात्वतांपतिः* - जो सत्य उलयतल्यांलो किंवा सात्वत कुलाचो स्वामी आसा, तो.

भगवान श्री कृष्ण सत्यस्वरूप आशिल्यान तागेले उपासना करचे जनांक *सत्यवत्* किंवा *सात्वत* धर्माचे उपासक म्हणताचि. वासुदेव तागेलो उपास्य दैवत आशिल्यान *सात्वतांपति* जावनुं आसा.

पद्मपुराणांतु विष्णुभक्तांविशय हे तरेन वर्णन केल्लिें आसा.

*"सत्वं सत्वाश्रयं सत्वगुणं सेवेत केशवम् ।*
*योऽनन्यत्वेन मनसा सात्वतः समुदाहृतः ॥*
*विहाय काम्यकर्मादीन् भजेदेकाकिनं हरिम् ।*
*सत्यं सत्वगुणोपेतो भक्त्या तं सात्वतं विदुः ॥"*

- सत्त्व, सत्त्वाचे आश्रयस्वरूप तेचि तरेन सत्त्व गुणाचे केशवाक जो अनन्य मनान भजता ताका सात्त्वत म्हणताचि. सर्वतरेचिं काम्य कर्म त्याग करनुं जो सत्त्वगुणांचे हरीलें भक्तिभावनेन पूजन करता ताकाचि सात्त्वत म्हणताचि.

*जीवो विनयितासाक्षी मुकुन्दोऽमितविक्रमः ।*
*अम्भोनिधिरनन्तात्मा महोदधिशयोन्तकः ॥ ५५ ॥*

## (५१४). *जीवः* - जो सर्व जीवांलो आत्मा जावनुं आसा, तो.

परमात्माक जीवात्मा म्हण्णुं संबोधन केलें म्हण्णुं जीवात्मा परमात्माले समसमान किंवा ते दोग्गांतु ऐक्य आयलें म्हण्णुं समज न्हंय. जीव परमात्मा तरेन नित्य आनी शाश्वत आसल्यारियी तो परमात्मा पासून भिन्न आनी अस्वतंत्र आसून परमात्मावयर आधारित आसता. जीवालें अस्तित्व तागेल्यांतले परमात्म तेजाक लागून सिद्ध आशिल्यान परमात्मा जीवांलो आत्माचि जावनुं आसा. परमात्मा बिम्ब आसून जीव तागेलो केवल प्रतिबिम्ब आशिल्यान जीव मुक्तावस्थेंतु सुद्धां परमात्म जावू शकना. *"मुक्ताः प्राप्य परं विष्णुं तद्देहं संश्रिता अपि । तारतम्येन तिष्ठंति गुणैरानंदपूर्वकैः ॥"* - मोक्ष प्राप्त जाल्लिो जीव केवल सर्वोत्तम विष्णुलें परमपद प्राप्त करनुं, आनंदादि गुणांचो तारतम्य भावनेन अनुभव घेवू शक्ता शिवाय तो परमात्मा जावूं शकना.

(५१५). *विनयितासाक्षी* - जो जीवांक विशेष रीतीन मार्गदर्शन करचांतु सक्षम आसा, तो.

जीव स्वतः स्वतंत्र रीतीन कांयी करुं शक्त ना. मुण्डकोपनिषदांतु सांगिल्ले तरेन केवल परमात्मा *"श्रोत्रस्य श्रोत्रं मनसो मनो यद् वाचो ह वाचं स उ प्राणस्य प्राणः . . ."* जावनुं आसा. *"अन्यदेव तद्विदितादथो अविदिताधि ।"* सर्वापेक्षा अद्वितीय आशिल्यान तो सर्वांक दीसना.

(५१६). *मुकुन्दः* - जो जीवांक मुक्ति प्रदान करता, तो.

मनुष्याक तागेलें कर्म बन्धनकारक आशिल्यान भागवत पुराण सांगता, *"यत्कर्मनिर्हारमभीप्सतां हरेर्गुणानुवादः खलु सत्वभावनः ।"* - कर्मफलनाश जावचे इच्छा करतल्यांक श्री हरिले गुणगानान वाट सुगम जाता. *"नातः परं पुनः कर्मसु सज्जते मनो रजस्तमोभ्यां कलिलं ततोन्यथा ॥"* - हे कलि कालांतु मनांतलें राजस् आनी तामस् वृत्ती विंगड स्वंयचेयी कर्म कार्यान नाश जायना.

(५१७). *अमितविक्रमः* - जो असीम पराक्रमाचो आसा, तो.

भगवंत सर्व जीवांविषय दयालु आशिल्यान तागेलें लक्ष्य सज्जनांलि सात्विक भावना प्रवृत्त करचांतु आनी दुर्जनांलि तामसिक भाशना निवृत्त करचांतु प्राधान्यतेन दिसता. जगातलें अज्ञान नाश करनुं लोककल्याणा स्वातीर धर्म आनी ज्ञान स्थापन करचें स्वातीर आपण्यालि शक्ति आनी पराक्रम तो दाखयता.

*"त्रीणि पदा विचक्रमे विष्णुर्गोपा अदाभ्यः अतो धर्माणि धारयन् ।"* हे वैदिक मंत्राचो अर्थाचो समज योग्य रीतीन करका. *'अदाभ्यः'* - अमर आनी अजिंक्य असलो विष्णु *'धर्माणि'* - लोककल्याणकारक कर्म *'धारयन्'* - आधारभूत जावनुं *'गोपाः'* - जगाचें रक्षण करत तीन पावलांनि पृथ्वीवयर संचार करता. विष्णुलें हें असीम पराक्रमाचें वर्णन ऋग्वेदांतु ऋषी करता. - *"विष्णोर्नुक वीर्याणि प्रवोच ।"* *"प्रतद्विष्णुः स्तवते वीर्येण मृगो न भीमः कुचरो गिरिष्ठाः ।"* - शत्रूंले विनाशकार्य पर्वतांतले भयंकर सिंहातरेन आसून शत्रूंले विनाश करचे विष्णुले वीरकर्मांचि स्तुती सर्व जन करताचि. *"अस्य जानन्तो नाम चिद्विवक्तनः ।"* - उपासकांनि विष्णु नावांतलो व्यापक अर्थ समजून तागेलें संकीर्तन करका.

(५१८). *अंभोनिधिः* - जो जलसागराचो भाण्डार आसा, तो.

जे तरेन पृथ्वीचो स्वभाव *स्थिती* आसता तेचि तरेन जल - उदकाचो स्वभाव *गति* आसता. जलसाधना ही वास्तविक रससाधना आसा. इष्टदेवतेचें नामामृताचो रसस्वाद घेवचो हो साधनेचो मुख्य उद्देश आसता. नामामृताचो आसाद घेतिलो मनुष्य संसार तापत्रयान त्रस्त जायना. अखंड नामस्मरणान आत्मसमर्पणाचि भावना वाढता. सात्विक संस्मरणान तन-मनावयले संस्कार शुद्ध जावनुं भगवंताले अक्षय भाण्डारांतु सहभाग जावचाक जीवात्मा सक्षम जाता.

(५१९). *अनन्तात्मा* - कोणाले आत्मस्वरूपाक अंत ना, तो.

परमात्मालो आत्मा मूलतः नित्य, व्यापक आनी विस्तरित आशिल्यान तागेले आत्मस्वरूपाक सीमा ना. *"नान्तोऽस्मि मम दिव्यानां विभेतिनां परन्तप ।"* म्हण्णुं श्री कृष्ण गीतेंतु उद्गार काडता.

(५२०). *महोदधिशयः* - जो अनंत सागरांतु शयन करता, तो.

भागवत पुराणांतु शेषशायी श्रीमन्नारायणालें स्वरूप दर्शन आसा. *"उदाप्लुतं विश्वमिदं तदाऽऽसीद् यन्निद्रयामिलितदृङ् न्यमीलयत् । अहोन्द्रतल्पेऽधिशयान एकः कृतक्षणः स्वात्मरतौ निरीहः ॥"* - विश्व निर्माण करचें पयलें अनंत सागरांतु शेषशयनावयर आपण्याले अर्ध झांकिले दोळ्यान केवल श्रीमन्नारायण योगनिद्रेचे आनंदांतु रमतालो.

(५२१). *अन्तकः* - जो विश्वाचो अंत करता, तो.

जितलें विश्वाचें निर्माण कार्य तितलेंचि ताजे अंत करचें परमात्मालें महत्वाचें कार्य जावनुं आसा. *"अहं कृत्नस्य जगतः प्रभवः प्रलयस्तथा । . . . सर्वभूतानि कौन्तेय प्रकृतिं यान्ति मामिकाम् । कल्पक्षये पुनस्तानि कल्पादौ विसृजम्याहम् ॥"* म्हण्णुं सृष्टीचे निर्माण-विनाश कार्याचे रहस्य गीतेंतु (७.६; ९.७) सांगचांतु आयलें.

*अजो महार्हः स्वाभाव्यो जितामित्रः प्रमोदनः ।*
*आनन्दो नन्दनो नन्दः सत्यधर्मा त्रिविक्रमः ॥ ५६॥*

(५२२). *अजः* - **कोण जन्माक येना, तो.**

श्रीमन्नारायण सामान्य जीव-जगत् तरेन जन्माक येना. तो नित्य आनी अविनाशी आशिल्यान ताका जन्म-मरणाचें कार्य ना. *"नहि जातो न जायोऽहं न जनिष्ये कदाचन । क्षेत्रज्ञः सर्वभूतानां तस्मादहमजः समृतः ॥"* - माका मागशीं केन्नांयी जन्म जालो ना, आतां ना आनी मुखारवी जावचो ना. आपण्यालेचि योग शक्तीन तागेंचि निर्माण केलिले प्रकृतीक अधिष्ठान करनुं तागेलो प्रादुर्भाव जाता. *"अजोऽपि सन्नव्ययात्मा भूतानामीश्वरोऽपि सन् । प्रकृतिं स्वामधिष्ठाय सम्भवाम्यात्ममायया ॥"* (गीता.४.६).

(५२३). *महार्हः* - **जो श्रेष्ठ पूजेक योग्य आसा, तो.**

विश्वरूप पोळेवनुं आश्चर्य जालिलो अर्जुन उद्गार काडता : *"कस्माच्च ते न नमेरन्महात्मान् गरीयसे ब्रह्मणोऽप्यादिकर्त्रे । अनन्त देवेश जगन्निवास त्वमक्षरं सदसत्तत्परं यत् ॥ . . . तस्मात्प्रणम्य प्रणिधाय कायं प्रसादये त्वामहमीशमीड्यम् ॥"* (गीता.११.३७ आनी ४४).

(५२४). *स्वाभाव्यः* - **जो स्वतःचे स्वभावा तरेन आसून प्रगट जाता, तो.**

भक्तांले उद्धारास्तातीर तो शरीर धारण करत आसल्यारियी परमात्मा आपण्याले स्वाभाविक गुणधर्मापासून अभिन्न आसता. *"नासदासीन्नो सदासीत्तदानी नासीद्रजो नो व्योमा पुरो यत् । . . . आनीदवातं स्वधया तदेकं तस्माद्धान्यन्न परः किं चनास ॥"* ऋग्वेद सांगता. परमात्मा एक्लोचि स्वयंभू आनी स्वयंसिद्ध आसून तागेले इच्छा, ज्ञान, बल, क्रिया हे तागेले स्वभाविक शक्तीक लागून विश्व नियंत्रणेंतु आसता. *"इच्छा ज्ञान बल क्रिया स्वभाविकी शक्तिः एतद् देवस्य ।"*

(५२५). *जितामित्रः* - **कोण शत्रुंवयर विजय पावता, तो.**

धर्माचे विरुद्ध कार्य करचे जनांवयर विजय पावचें पुरुषार्थाचें लक्षण आसा. परमात्माले साक्षात्काराचि सदिच्छा धरचे साधकांले स्वाभाविक शत्रु तांगेले भितर आसचे काम-क्रोध हे षड्रिपु आनी भायर आसचे असुर वृत्तीचे जन. भक्तांवयर कृपादृष्टी दवरनुं तांगेले अध्यात्मिक उन्नतिचे काळजी घेवचे भगवंताले स्वाभाविक शत्रु सुद्धां तेचि आसताचि. असलें शत्रूंवयर विजय पावचो परामात्मा *जितामित्रः* आसा.

(५२६). *प्रमोदनः* - **जो सदा आनंद आनी सहर्ष अनुभव करता, तो.**

सर्व शत्रुंवयर विजय पावचो पुरुष सदाकाल आनंदाचो अनुभव घेत आसता. *जितामित्र* जनार्दन स्वतः आनंदित आसता इतलेंचि न्हंय तर इतरांकवी आनंदित करता.

(५२७). *आनन्दः* - **कोणांलें स्वतःचे स्वरूप आनंदमय आसा, तो.**

*"एतास्यैवानन्दस्यान्यानि भूतानि मात्रामुपजीवन्ति ।"* म्हण्णुं बृहदारण्यकोपनिषदांतु सांगल्यां. तागेले आनंदस्वरूपावयर सर्व भूतजातींचो आनंद अवलंबून आसा.

**(५२८). *नन्दनः* - जो सर्वांक आनंद दिता, तो.**

मनुष्याले चारी दिकान पसरायिलें मायाजाल जेन्नां परमात्माले अनुग्रहाक लागून दूर जाता तेन्नांचि भक्तांक भगवंताले परमानंदाचो अनुभव जाता.

**(५२९). *नन्दः* - जो परमानंद संपन्न आसा, तो.**

परमात्मा स्वतःचे आंतरिक परमानंदाचो अनुभव सदा सर्वदा घेत आशिल्यान परमात्मा नंद आसा.

**(५३०). *सत्यधर्मा:* - कोणालो मूल स्वभाव धर्मस्वरूप आसा, तो.**

अनादिकालापासून धर्म म्हळ्यार किर्ते आनी ताजें स्वरूप किर्ते म्हण्णुं विचार चलत आयिलो आसा. धर्माचे प्रमुख स्वरूप आशिले विष्णु धर्म धारण करता. *". . . विष्णुर्गोपा अदाभ्यः । अतो धर्माणि धारयन् ॥"* (१.२२.१८). *"सुजन्मनि धिषणे अन्तरीयते । देवो देवी धर्मणा सूर्यः षुचिः ॥"* (१.१६०.१) - सूर्य धर्म भावनेन प्रवृत्त जावनुं अंतराळांतु फिरत आसता. *"धर्मणा मित्रावरुणा विपश्चिता व्रता रक्षेथे ।"* (५.६३.७) - मित्र आनी वरुण धर्माचरणेन यज्ञादि कर्म सफल करताचि. हे तरेन विष्णु धर्मसरूपान समस्त जगताचो आधारभूत आसा. *"धर्मो विश्वस्य जगतः प्रतिष्ठा ॥"*

**(५३१). त्रिविक्रमः - कोणें तीन लोक पादक्रमण केलें, तो.**

तीन लोक पादांकित करचे श्री विष्णुले महत्व अविनाशी आसा. तीन लोक म्हळ्यार पृथ्वी, अंतरिक्ष आनी स्वर्ग; स्थूल, सूक्ष्म आनी कारण देह; सत्व, रज आनी तमस् गुणं; भूत, वर्तमान आनी भविष्य काळ; उत्पत्ति, स्थिती आनी लय; जाग्रत, स्वप्न आनी सुषुप्ति - हे सर्वांचे ज्ञान भगवद् कृपेनचि साध्य जाता.

*महर्षिः कपिलाचार्यः कृतज्ञो मेदिनीपतिः ।*
*त्रिपदस्त्रिदशाध्यक्षो महाश्रुङ्गः श्रृतान्तकृत् ॥ ५७ ॥*

**(५३२). *महर्षिः* - जो महान् क्रान्तदर्शी द्रष्टा आसा, तो.**

श्री शंकराचार्यांनी *'महर्षिः'* आनी नंतरचें *'कपिलाचार्यः'* नांव दान्नीं जोडनुं घेतिलीं आसाचि. पुण हांगा *'महर्षिः'* आनी *'कपिलाचार्यः'* अशें विंग-विंगड शब्दांचो उपयोग केलिलो अशें दिसून आयिल्यान ते शब्दांचो अर्थ वेग-वेगळे तरेन दिलिलो आसा.

सर्व सामान्य जीवनांतु साधक आपण्याले इन्द्रियांक प्रेरित जाता. पुण जशें जशें साधकांलि इन्द्रियं सूक्ष्म जाताचि तशें तशें तांचि अकलन दृष्टी दीर्घ जाता आनी साधक ऋषी जाता. ऋषी हो क्रान्तदर्शी आशिल्यान तागेले ज्ञानाचें माध्यम इन्द्रियातीत आसता. प्राकृत शरीराचे विकार ऋषीक बाधनांचि.

परमात्माले शरीर सुद्धां सूक्ष्म आनी प्राकृत इन्द्रियांचे विकारान विकृत जालिले नाशिल्यान तो सुद्धां क्रान्तदर्शी ऋषी आसा. *"प्रादुर्भावा हरेः सर्वे नैव प्राकृतदेहिनः । निर्दोषगुणसंपूर्णा दर्शयन्त्यन्यथैव च ॥"* (महाभारत तात्पर्य निर्णय) म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य सांगताचि. परमात्मालिं इन्द्रियं ऋषीलें इन्द्रियांपेक्षां अतिशय सूक्ष्म आशिल्यान तो महान् ऋषी किंवा महर्षि आसा.

(५३३). ***कपिलाचार्यः*** - कोणें कपिल मुनिलो अवतार घेतिलो, तो.

श्री मध्वाचार्य आनी श्री शंकराचार्यांले मतान भारतीय आध्यात्म परंपरेंतु दोन कपिल नांवाचे ऋषी आसाचि. एक कपिल कर्दम आनी देवहूतीलो पूत आसुन ताणें आपले आवयक सांख्य मताचो उपदेश दिलो. हाजो उल्लेख भागवत पुराणांतु जालिलो आसा. दुसरो एक कपिल अवैदिक सांख्य मताचो प्रवर्तक आसून तागेलो सिद्धांत वेदप्रामाण्य म्हण्णुं मानचांतु येना. हो वादाचो विषय आशिल्यान हाजे वयर अनेक विचार संशोधकांनि प्रस्तुत केल्लिले आसाचि.

वैदिक धर्माचो प्रवर्तक आशिले कपिलमुनीक गीतेंतु (१०.२६) *"सिद्धानां कपिलो मुनिः"* म्हण्णुं भगवंतालि एक विभूति म्हण्णुं सांगल्यां.

## (५३४). *कृतज्ञः* - कोणाक स्वतःचे दरएक कर्माचें ज्ञान आसा, तो.

भगवान सर्व गुणग्राही इतलेंचि न्हंय तर सर्वज्ञ आसा. *"पूर्णाव्ययागणितनित्यगुणार्णवोऽसावि"* म्हण्णुं महाभारत तात्पर्य निर्णयांतु श्री मध्वाचार्य तागेलें वर्णन करताचि.

## (५३५). *मेदिनीपतिः* - जो पृथ्वीचो स्वामी आसा, तो.

*"हिरण्यगर्भः समवर्तताग्रे भूतस्य जातः पतिरेक आसीत् । स दाधार पृथिवीं द्याम् उतेमां कस्मै देवाय हविषा विधेम ॥"* म्हण्णुं ऋग्वेदांतु (१०.१२९.१) परमात्माले हे भूमण्डलाचे अधिपत्याविशय उल्लेख केल्लिलो आसा.

## (५३६). *त्रिपदः* - कोणांले पादक्रमण तीन क्षेत्रांतु आसा, तो.

परमात्मा व्यापक आनी सर्वगामी आशिल्यान मनुष्याले केवल मर्यादित स्वरूप मात्र अभिप्रेत जाता. तीन लोकांतु (पृथ्वी-अंतरिक्ष-स्वर्ग), तीन काळांतु (भूत-वर्तमान-भविष्य), तीन गुणांतु (सत्व-रज-तम), तीन अवस्थेंतु (जागृत-स्वप्न-सुषुप्ति) तो विंग-विंगड तरेन अभिव्यक्त जाता. पुण हे तरेन विविध रीतीन अभिव्यक्त जालिल्यान तागेले मूल स्वरूपांतु व्यत्यय येना.

## (५३७). *त्रिदशाध्यक्षः* - जो तीन अवस्थांचो अधिपति आसा, तो.

मांडूक्योपनिषदांतु सांगल्यां - *"अयमात्मा ब्रह्म । सोऽयमात्मा चतुष्पात् ॥"* हे उपनिषदांतले मंत्रावयर श्री मध्वाचार्य स्पश्टायताचि : *"चतुर्धावस्थितो देहे परमात्मा सनातनः । . . . एष चतूरूप आत्मा सर्वज्ञात्वसर्वेश्वरत्वादिलक्षणः परमात्मा चतूरूपः सर्वप्राणिशरीरगः विश्वश्च तैजसः प्राज्ञस्तुरीयश्चेति कथ्यते ।"* हे चार रूपांतले तीन रूपं भौतिक पातळीवयर (*विश्व*-जागृत, *तैजस्*-स्वप्न, *प्राज्ञ*-सुषुप्ति) अभिव्यक्त जात आसून परमात्मालें चवथें (*तुरीय*-परमानंद) रूप केवल अपरोक्षज्ञानान अभिप्रेत जाता.

## (५३८). *महाश्रृङ्गः* - जो व्होड शींग धारण करता, किंवा जो उत्तुङ्ग शिखरातरेन आसा, तो.

सृष्टी प्रलय जाली तेन्नां परमात्मान आपण्याले मत्स्यावतारांतु राजा सत्यव्रताली नौका आपण्याले शींगाक जीव-जन्तूचें संरक्षण केलें. असुरराजा हयग्रीवान श्वेतवराहकल्पांतु जेन्नां वेद हरण केले तेन्नां परमात्मान ते परत हाडले. तेचि वेद मागीर ब्रह्मदेवाक दिले जे वेद आताचे वैवस्वत युगांतु वैवस्वत मनुक प्राप्त जाले. - *"अतीतप्रलयापाय उत्थिताय स वेधसे । हत्वासुरं हयग्रीवं वेदान् प्रत्याहरद्धरिः ॥ स तु सत्यव्रतो राजा ज्ञानविज्ञान संयुतः । विष्णोःप्रसादात् कल्पेऽस्मिन्नासीद् वैवस्वतो मनुः ॥"*

मनुष्यालें मन स्वात्मकेन्द्रित आसनासताना तें उंच पर्वतावयल्यान प्रशस्त प्रदेशांतु व्हांवचें नदी तरेन इन्द्रियांचे मृगजळ सदा सकयल धांवता. ताका लागून मन संसार चक्रांत् अडकल्लिलें आसता.

योग शास्त्रांतु श्वास-उच्छ्वासाक उदकाचे प्रवाहाचे उदाहरण दिल्लिं आसून तांतूत परमात्मा प्राणस्थान मासळे तरेन वयर सकयल फिरत आसता. जेन्नां इन्द्रियांचे प्रलोभनाक लागून मनुष्यालि मनशक्ति आनी प्राणशक्ति विचलित जाता तेन्नां प्राणाचो प्रवाह यम-नियमान नियंत्रतेंतु दवरचे कौशल्य योगशास्त्र शिकयता. *"योगश्चित्तवृत्तिनिरोधः ॥"* मनाचि चंचल वृत्तियवर नियंत्रण दवरचेंचि योग आसा. वास्तविक प्राण परमात्माचि आशिल्यान प्राणायमानचि परमात्मरूपी शिखर - परमपद - साधक प्राप्त करता.

## (५३९). *कृतांतकृत* - जो कालाचो काल - महाकाल आसा, तो.

भगवद्गीतेंतु श्री कृष्ण आपण्याले विभूतीचें रहस्य सांगताना म्हणता *"कालोऽस्मि लोकक्षयकृत् प्रवृद्धो लोकान् समाहर्तुमिह प्रवृत्तः ।"* (११.३२). हे पातळीवयल्यान परमात्मा जगाचे बन्धन, नाश, ज्ञान प्रदान करचो आनी परिपूर्णगुणांचो श्रेष्ठ पुरुष आसा.

*महावराहो गोविन्दः सुषेणः कनकाङ्गदी ।*
*गुह्यो गभिरो गहनो गुप्तश्चक्रगदाधरः ॥ ५८ ॥*

## (५४०). *महावराहः* - जो महाज्योतिस्वरूप आसा किंवा कोणें वराह रूप धारण केलिलें, तो.

महावराह म्हळ्ळें कीं श्री विष्णुले वराहावताराचो उगडास येता. जेन्नां पृथ्वीक असुरराजा हयग्रीवान रसातळांतु हरण करनुं व्हेलें तेन्ना श्रीमन्नारायण वराह अवतार धारण करनुं पृथ्वीक मुक्त करता.

हे अद्भुत घटनेमागशींचें रहस्य जाणचाक जाय. वैदिक वाङ्मयांतु वराहाचो अर्थ जल पीवनुं वयर व्हरचे सूर्य किरणांबरोबर केल्लिलो आसा. पृथ्वी -स्थूल आशिल्यान ताका जड आनी स्थिरत्वाचो गुण आसता असूरी वा तामसी प्रवृत्तीक लागून ही जडता रसातळाक वता. जो पर्यंत मनुष्य आपण्याले उन्नती खातीर ऊर्ध्वगतीची दिशा धरना तो पर्यंत पृथ्वी आपण्याले जड आनी स्थूल गुणांक लागून इन्द्रियांक तामसी वृत्तीकडेन आकर्शित करता. असले समय अंतःकरणांतलो परमात्माचि आपण्याले अनुग्रहदृष्टी पसरावनुं मनुष्यालें आध्यात्मिक जीवन प्रदीप्त करता. तेन्नांचि शरीरांतलि अशुद्ध तामस वृत्ती नाश जावनुं थंय भगवंताले साम्राज्य आनी वैभव पसरता.

## (५४१). *गोविन्दः* - जो इन्द्रियांचो, पृथ्वीचो किंवा किरणांचो स्वामी आसा, तो.

वैदिक परिभाशेंतु *'गो'* शब्दाक अनेक अर्थ आसाचि. *महावराहः* नांवानंतर *गोविन्दः* नांव येवचें यथार्थ जावनुं आसा. तामस प्रवृत्तीन त्रस्त जालिले इन्द्रियांक, रसातळांतु आशिले पृथ्वीतरेन वयर हाडनुं ज्योतिस्वरूप आध्यात्मिक शक्ती दिकान व्हरचें कार्य परमात्मा आपण्याले अनुग्रहाक लागून करता.

*"गोभिः वाणिभिः वेद्यत इति वेदान्तवाक्यैरिति वा गोविन्दः । गोभिरेव यतो वेद्यो गोविन्दः समुदाहृतः ।"* - कोणांले ज्ञान वेदांचे मुखांतर मेळता, तो गोविन्द जावनुं आसा, म्हण्णुं श्री शंकराचार्य अर्थ करताचि.

## (५४२). *सुषेणः* - कोण दैवी शक्तीन संपन्न आनी परिपूर्ण आसा, तो.

असूरी शक्ति प्रबल जालिले तेन्नां दैवी शक्तिचि प्रतिकार करता. अध्यात्म साधनेंतुवी शक्ति आनी बल हांचें महत्व आसता. श्री मध्वाचार्य महाभारत तात्पर्यांतु सांगताचि *"सर्वेषां ज्ञानदो विष्णुर्यशोदादेतेति चोदितः । . . . यो य एव बलश्रेष्ठः क्षत्रियेषु स उत्तमः । अंगं चेद्विष्णुकार्येषु तद्भक्त्यैव न चान्यथा ॥ . . . कृष्णरामादिरूपेषु बलकार्यो जनार्दनः । दत्तव्यासादिरूपेषु ज्ञानकार्यस्तथा प्रभुः ॥"* - सर्वांक विष्णुचि ज्ञान दिवनुं यशस्वी करता . . . क्षत्रियांतु जे कोण बलशाली आसता तेंचि उत्तम; पुण तें बल भगवत्कार्यासातीर आनी विष्णु भक्तिन जोडिलें आसका. नासल्यार उत्तम

शक्ति आनी बलाक अहंकाराचो दुर्गन्ध येता देकून कृष्ण आनी रामाले स्थान जनार्दनान बलाचें कार्य केलें आनी दत्त आनी व्यास स्थान ज्ञानकार्य केलें.

(५४३). **कनकाङ्गदि - कोणाले बाहूबंध शुद्धसरूप आसाचि, तो.**

श्री विष्णु चार हातांतु चार आयुधं - शंख, चक्र, गदा, पद्म - धारण करता. हीं भांगराचि म्हळ्यार भगवंताले ज्ञान, बल आनी क्रियाशक्तिचीं साधनं जावनुं आसाचि. वैदिक परिभाशेंतु भांगर शुद्ध संकल्पाचें प्रतीक जावनुं आसा.

(५४४). **गुह्यः - कोणांलें अस्तित्व गुप्त, रहस्यमयाचे आसता, तो.**

परमात्मा दर एक जीवांतु आत्मस्थान आसल्यारियी तागेलें ज्ञान सर्वांक सहजरीतीन मेळना. *"नित्यो नित्यानां चेतनश्चेतनानां एको बहूनां यो विदधाति कामान् । तमात्मस्थं येऽनु पश्यन्ति धीरास्तेषां शान्तिः शाश्वती नेतरेषां ।।"* (कठोपनिषद) *"तद् वदेगुह्योपनिषत्सु गुह्यम् तद् ब्रह्म वेदते ब्रह्मयोनिम् । ये पूर्वं देवा ऋषयश्च तद् विदुः ते तन्मया अमृत वै बभूव ।।"* (श्वेताश्वतरोपनिषद). *"तं दुदर्शं गूढमनुप्रविष्टं गुहाहितं गह्वरेष्ठं पुराणं । अध्यात्मयोगाधिगमेन देवं मत्वा धीरो हर्षशोको जहाति ।।"* - दुर्लभ आनी गूढ अशिल्यान प्रयत्नान प्रत्यक्ष जावचो, सर्वांले अंतःकरणांतले ते परमात्माले अपरोक्ष ज्ञान ध्यान-योगान घेवचे धीर पुरुष, इन्द्रियांचे सुख मेळिल्यान हर्ष पावनांचि किंवा सुख ना मेळिल्यान शोक करनांचि.

(५४५). ***गभीरः*** **- जो स्वभावान आनी अपण्याले कर्तव्यांतु गंभीर आसता, तो.**

ज्ञान, बल, विद्या आनी ऐश्वर्यान परिपुर्ण आशिलो परमात्मा आपण्याले सृष्टीचे नियमन कार्याचें उत्तरदायित्व जबाबदारीन घेता. देकून *"सहयज्ञाः प्रजाः सृष्ट्वा पुरोवाच प्रजापतिः । अनेन प्रसविष्यध्वमेष वोऽस्त्विष्टकामक् ।।"* (३.१०). आपण्यान अवतार घेवचो उद्देश लोकक्कल्याण आनी मनुष्यांक आदर्श घालनुं दिवचें अशिल्यान आपण्याक हे स्वतांतु करपालेंयी कर्तव्य नासल्यारियी तो कर्म करत आसता. कारण जर तार्णे कर्म केलिं ना तर सामान्य मनुष्य कर्म ना करतें होते जीवनाचे लक्ष्य आसा म्हण्णुं कर्तव्यापासून विमुख जाताले. देकून आपण्याले आतार कार्य गांभीर्यान करता. तेचि तरेन मनुष्यांनि सुद्धां आपण्याले कर्तव्याचें पालन यज्ञकर्म म्हण्णुं फलाचि अपेक्षा नासताना करका. *"यज्ञार्थात्कर्मतोंऽयं लोकोऽयं कर्मबन्धनः । तदर्थं कर्म कौन्तेयं मुक्तसङ्गः समाचर ।।"* (३.९) जो आपण्याले कर्तव्याचि जबाबदारी विसरता, तो कामचोर आसा. *"इष्टान्भोगान् हि यो देवा दास्यन्ते यज्ञभाविताः । तैर्दत्तानप्रदायैभ्यो यो भुङ्क्ते स्तेन एव सः ।।"* (३.१२) *"कर्मणैव हि संसिद्धिमास्थिता जनकादयः । लोकसंग्रहमेवापि संपश्यन्कर्तुमहसि ।।"* (३.२०) - जे तरेन जनकादि साधक आप-आपण्यालें कर्तव्य करनुं परमात्माले लोकक्कल्याणाचे कर्मनियमांतु हातभार दिता, तेचि तरेन मनुष्यान जबाबदारीन आपण्याले कर्म करका. तेन्नां तोचि संन्यासी, योगी म्हणोवनुं घेवचाक अधिकारी पुरुष आसा - *"अनाश्रितः कर्मफलं कार्यं कर्म करोति यः । स संन्यासी च योगी च न निरग्निर्न चाक्रियः ।।"* (६.१).

जे तरेन परमात्मा गंभीर आसता तेचि तरेन जर मनुष्य आपण्याले कर्माविशय जबाबदार आसता तर परमात्मालें कार्य सुलभ रीतीन पार पडता. पुण हें तेन्नांचि शक्य आसा, जेन्नां सर्व कामना त्याग करनुं आशा अपेक्षानासताना, आपण्यान हें कर्म केल्यां हो अहंकार नासताना सर्व कर्म करता तेन्नां तो परम शान्ति प्राप्त करता - "विहाय कामान्यः सर्वान्पुमांश्चरति निःस्पृहः । निर्ममो निरहङ्कारः स शान्तिमनिगच्छति ।।" (२.७१). तें परम पद ताका सर्वांले तपाचे प्रभावान आनी देवाले प्रसादाक लागूनचि प्राप्त जाता. *"तपः प्रभावात् देव प्रसादाच्च ब्रह्म ह श्वेताश्वतरोऽथ विद्वान् । अत्याश्रमिभ्यः परगं पवित्रं प्रोवाच संम्यगऋषीसंघजुष्टम् ।।"* (श्वेताश्वतयोपनिषद).

(५४६). ***गहनः*** **- जो समजचाक कठीण आसा, तो.**

(५४७). **गुप्तः - जो अद्दृश्यरूपान आसा, तो.**

*"नायमात्मा प्रवचनेन लभ्यो न मेधया न बहुना श्रुतेन । यमेवैष वृणुते तेन लभ्यः तस्यैष आत्मा विवृणुते तनूं स्वाम् ॥"* - कठोपनिषदाचें हें प्रसिद्ध वचन लक्षांतु घेवका. परमात्मा सर्व जीवात्मांतु गुप्तरीतीन आशिल्यान तो सर्वांक प्राप्त जायना. स्वंयचे मनुष्याक तो वेंचता ताकाचि तो प्राप्त जाता. श्रवण, मनन, निधिध्यासन आनी भगवंताले अनुग्रहान केवल सूक्ष्म दृष्टीचे जनांक तें कार्य शक्य जाता. *"एष सर्वेषु भूतेषु गूढात्मा न प्रकाशते । दृश्यते त्वग्र्यया बुद्ध्या सूक्ष्मया सूक्ष्मदर्शिभिः ॥"* (कठोपनिषद). तो आत्मांतु आसल्यारियी सर्वांक प्रगट जायना. तीक्ष्ण बुद्धीचे सूक्ष्मदृश्टीचे जनांकचि तो दिसता.

### (५४८). *चक्रगदाधरः* - जो चक्रगदा इत्यादि आयुध धारण करता, तो.

श्री विष्णु आपण्याले प्रगट रूपांतु शंख, चक्र गदा आनी पद्म हातांतु धारण करता. *"तेजस्त्वं सुदर्शनम्"* - सुदर्शन चक्र परमात्मालें तेजाचें प्रतीक आसा. *"आद्या विद्या गदा वेद्या सर्वदा मे करेस्थिता"* - तागेले हातांतलि गदा सनातन विद्येचें प्रतीक आसून *"गर्वम् दालयति इति गदा"* - ती गदा अहंकारी मनुष्यांलो गर्व हरण करता.

> ***वेधाः स्वाङ्गोऽजितः कृष्णो दृढः संकर्षणोऽच्युतः ।***
> ***वरुणो वारुणो वृक्षः पुष्कराक्षो महामनाः ॥ ५९ ॥***

### (५४९). *वेधाः* - जो विश्वाचो कर्ता आसा, तो.

हे विश्व परमात्मान आपण्याले केवल सत्यसंकल्पाक लागून, विंगड कांयी वस्तूंचे मदत किंवा आधार घेतले शिवाय निर्माण केलें. कुंभारान मातीचे साहाय्यान आयदन केल्यार ताका सर्जन केलें म्हणनांचि. ताका मातीचें परिवर्तन आयदनांतु केलें म्हणताचि. जेन्नां केवल संकल्प उपयोजनेंतु हाडनुं विश्व निर्माण जाता, तेन्नां तें सर्जन कार्य जावनुं आसता.

### (५५०). *स्वाङ्गः* - विश्व कोणांले अङ्ग स्वरूप आसा, तो.

हें विश्व परमात्माले अङ्ग अङ्गान निर्माण जावनुं ताजो विस्तार सर्व दिकान पसरल्यारियी तो स्वतः पूर्णचि उरलो. *"सहस्रशीर्षा पुरुषः सहस्राक्षः सहस्रपात् । स भूमीं विश्वतो वृत्वाऽत्यतिष्टदशाङ्गुलम् ॥"*

### (५५१). *अजितः* - जो जेन्नांयी अजेय आसता. तो.

सर्व कांय तागेले पासूनचि निर्माण जालिल्यान कोण ताका जिंकू शक्तालो ? संसारांतु तागेलो संघर्ष ताणें आपण्याले सावळी बरोबर करचो संघर्ष आसा. पुण जे तरेन समुद्रमंथनांतल्यान अमृत आनी हालाहल वीष वयर अयलें ते तरेन निर्माण जालिले विश्वांतु सद्गुणांसयत दुर्गुणांचोबी व्यवहार आसता. सत्व-रज-तम हे गुणांचे मिश्रणान कामक्रोध जन्माक येता. *"प्रकृतेः क्रियामाणानि गुणैः कर्माणि सर्वशः ।"* (३.२७) *"काम एष क्रोध एष रजोगुणसमीद्भवः । महाशनो महापाप्मा विद्ध्येनमिह वैरिणम् ॥"* (३.३७). देकून जो काम-क्रोधा वयर विजय पावता तोचि खरो योगी आसता. परमात्मा गुणातीत आशिल्यान तो जय-पराजयाचे पेल्तडेन आसा. वास्तविक ताका जिंकचे असलें कांयी अस्तित्वांतु नासता.

### (५५२). *कृष्णः* - जो सर्वांक आकर्षण करता,तो.

तो अजेय आशिल्यान जे कोण तागेले प्रतिस्पर्धी म्हण्णुं मुखार येताचि ते सर्वांले मन तागेले प्रति आकर्षित जावनुं ते ताका शरण वतचि.

कृष्ण हो श्यामल वर्णाचो आसा. आनी श्यामल, काळ्ये रंगांतु स्वयंचोयी रंग मेळ्यल्यार तो रंग काळोचि उरता. जे तरेन स्वयं प्रभावित जालिलो भक्त ताका शरण वता, ते तरेन विरोध करचो प्रतिस्पर्धी सुद्धां अखेरीक तागेले आकर्षक शक्तिक लागून परावृत जाता.

कृष्णालें हें मेघश्याम स्वरूप गूढ रहस्यमय आसून ते सामान्य जनांक समजना - *"अवजानानन्ति माम् मूढाः मानुषी तन्मुपाश्रितम् । . . . मम माया दुरत्यया ।"* - ही वैष्णवी माया गहन आनी अत्यंत दुस्तर आसा.

## (५५३). *धृढः* - जो अटल आनी निश्चित संकल्पाचो आसा, तो.

निसर्गांतले अविरत परिवर्तन जावचे संसारांतु नित्य आनी शाश्वत असलें तो केवल परमात्मा आसा. सत्य तागेलें स्वरूप आनी ऋत-धर्म तागेले अटल आनी सनातन नियमं जावनुं आसाचि.

## (५५४). संकर्षणः - श्रीमन्नारायणालें जें संहार सरूप जावनुं आसा. तो.

पांचरात्र आगमानुसार श्रीमन्नारायण हें मूल स्वरूप आसून जेन्नां सृष्टीनिर्माण कार्यास्तातीर तो प्रवृत्त जाता तेन्नां तें चार रूपांतु परिवर्तन जाता. मोक्षास्तातीर वासुदेवरूप, संहारस्तातीर संकर्षणरूप, सृष्टीस्तातीर प्रद्युम्नरूप आनी संरक्षणेस्तातीर तो अनिरुद्धरूप धारण करचांतु येता. श्रीवासुदेवरूपांतु तागेले स्वाभाविक षड्-ऐश्वर्यगुणं - ज्ञान, शक्ति, बल, ऐश्वर्य, वीर्य आनी तेज - आसून संकर्षणरूपांतु ज्ञान आनी बल, प्रद्युम्नरूपांतु ऐश्वर्य आनी वीर्य, अनिरुद्धरूपांतु शक्ति आनी तेज प्रधान्यतेन अभिप्रेत जाताचि.

*"संहारसमये युगपत् प्रजाः संकर्षतीति संकर्षणः"* म्हण्णुं श्री शंकराचार्य अर्थ सांगताचि. परमात्मालें हें संकर्षण कार्य कृपा शक्तिचें आसा. तांतूत *ऊर्ध्वाकर्षण* आसा आनी ताका लागून मनुष्याले तमोगुणाचि जडता आनी रजोगुणाचि उन्मतावस्था शांत जाताचि.

## (५५५). *अच्युतः* - जो आपण्याले कर्तव्य करचांतु केन्नांयी अचल आसा, तो.

*"यत्सर्वव्यापकं देवं परमं ब्रह्म शाश्वतम् । चित्सामान्यं जगत्यस्मिन् परमानन्दलक्षणम् ॥"* सर्व व्यापक श्री विष्णुलें शाश्वत परम हे जगांतु परमानंद दिवचें तसलें आसा. स्वतःचे संकल्पाक लागून अनेकानेक रूपांतु परिवर्तन जाल्यारियी तें सदा अविभाज्य, अचल, अच्युतरूपांतूचि आसता. तो पयलें पूर्ण आनी नंतरबी पूर्णचि आसता. *"स्वदीप्तं क्षोभयित्वा तु विद्युद्धत्स्वेन तेजसा । प्रकाशरूपी भगवानच्युतं चासृजाद्विज ॥"* म्हण्णुं पांचरात्र आगम जयाख्यसंहितेंतु सांगल्यां. *"सोंऽतवेलायामेतत् त्रयं प्रतिपद्येत । अक्षितमसि, अच्युतमसि, प्राणसंशितमसि ।"* - मनुष्यान आपण्यालो अंतकाळ आयलो कीं परमात्माले केन्नांयी क्षीण ना जावचे, केन्नांयी ना हालचें आनी मुख्यप्राणापेक्षां अधिक सुख दिवचे स्वरूपाचें ध्यान कुरका म्हणचें घोरअंगीरसाले अदेश छांदोग्योपनिषदांतु आसा.

## (५५६). *वरुणः* - जो तिळसाना अस्त जावचो सूर्य आसा, तो.

*"स्वरश्मीनां संवरणात् सायं गतः सूर्यो वरुणः ।"* - तिळसाना आपण्याले किरणं परत आपण्यांतु घेत आशिल्यान सूर्य वरुण म्हणोवनुं घेता. तिळसानाचो सूर्य वास्तविक विष्णुलें संकर्षण रूपाचेंचि एक प्रगट अविष्कार आसा. वैदिक दैवत संघांतु वरुणालें स्थान ऋताचो नियामक म्हण्णुं आशिल्यान तो मित्र, जें सूर्याले पूर्विल्लें रूप आसा, हे स्थानावयर विश्वनियमन आपण्याले नित्य, निरंतर करत आसता.

## (५५७). *वारुणः* - जो अस्त जालिले सूर्य किरणांचो अधिष्ठात्रि दैवत आसा, तो.

पौराणिक साहित्यांतु *वसिष्ठ* हो मित्र-वरुणालो पूत म्हण्णुं ओळखुवचांतु येता. आध्यात्मिक साहित्यांतु *वसिष्ठ* ह्याक - *"वसिष्ठः वासयतीति वसिष्ठः किंवा वस्ते इति वसिष्ठः"* - जो इतरांक आश्रय दिता किंवा इतरांक आवृत्त

करता तो वसिष्ठ म्हण्णुं अर्थ आसा. देकून बृहदारण्यकोपनिषदांतु स्पश्टयल्यां : *"यो ह वै वसिष्ठां वेद वसिष्ठः स्वानां भवति । वाग् वै वसिष्ठा । वसिष्ठः स्वानां भवत्यपि च येषां बुभूषति य एवं वेद ॥"* - जो कोण उत्तम अधिष्ठान जाणता तोचि स्वतःचे वाक्, प्राण, मन, इन्द्रियांवयर अधिष्ठित जावनुं इतरांक आश्रय दिता.

**(५५८). *वृक्षः* - जो झाडातरेन अचल आनी स्थिर आसा, तो.**

स्थिर पृथ्वी वयर आधार घेवचें वृक्ष धर्माचें मूर्तिमंत स्वरूप आसा. गीतेंतु *अश्वत्थाक* भगवंतालि विभूति म्हळ्यां - *"अश्वत्थः सर्व वृक्षाणां ।"* वैदिक साहित्यांतु *अश्व* - घोडो शक्तिचें प्रतीक म्हण्णुं वापरचांतु येता. परमात्मा अश्वत्थातरेन अचल आनी अश्वातरेन शक्तिसंपन्न आसा.

**(५५९). *पुष्कराक्षः* - कोणाले दोळे कमलातरेन आसाचि, तो.**

कमल हें शुभ्र, निर्मल आनी सत्व संकल्पाचें प्रतीक आसा. देकून भगवंताले दोळे कमला तरेन आसा किंवा जो हृदयकमलांतु आसून आपण्याली प्रकाश पसरायता - हे तरेन चिंतन करका म्हण्णुं श्री शंकराचार्य स्पश्टायताचि. *"हृदयपुण्डरीके चिन्तितः स्वरूपेण प्रकाशत इति पुष्कराक्षः"*

**(५६०). *महामनाः* - कोणालें मन व्होड विशाल आसा, तो.**

कोणांले विशाल मनांतले संकल्पाक लागून सृष्टीचें निर्माण-स्थिती-लय कार्य विस्तारित जालें. वास्तविक विशाल मनाचो पुरुषचि विश्वाचि काळजी घेवूं शकता. *"मनसैव जगत्सृष्टीं संहारं च करोति यः ।"* म्हण्णुं विष्णुपुराणांतु सांगल्यां.

मनुष्यान आपण्यालें मन विशाल आनी महान् करका हें छांदोग्योपनिषदांतु घालनुं दिलिलें व्रत आसा - *"मनो हिंकारः । वाक् प्रस्तावः । चक्षुरुद्गीथः । श्रोत्रं प्रतिहारः । प्राणो निधनं । एतत् गायत्रं प्राणेषु प्रोतं । स य एवमेतत् गायत्रं प्राणेषु प्रोतं वेद प्राणी भवति । सर्वमायुरेति । ज्योग् जीवति । महान् प्रजया पशुभिर्भवति । महान् कीर्त्या । महामनाः स्यात् । तद् व्रतं ॥"* - श्री मध्वाचार्य हे मंत्रावयर भाष्य करताना सांगताचि - पंचेन्द्रियांतु पांच तरेन सामभक्ति करका. मनांतु हिंकारस्थान प्रद्युम्न, वार्णीतु प्रस्तावस्थान वासुदेव, देळ्यांतु उद्गीथस्थान नारायण, कानांतु प्रतिहारस्थान अनिरुद्ध आनी प्रणवायूंतु निधनस्थान संकर्षण निवास करनुं आसा. हे तरेन इन्द्रियांतु निवास करनुं आशिले विष्णूले आश्रय गायत्रीन घेतिलो आसून तागेले पासून प्रेरित जाता, दीर्घायुष्य प्राप्त करता, वेदज्ञानी जाता, लौकिक प्रजासंपत्ती मेळ्यता, कीर्तिवंत आनी महामानव म्हण्णुं घेता.

*भगवान् भगहा नन्दी वनमाली हलायुधः ।*
*आदित्यो ज्योतिरादित्यः सहिष्णुर्गतिसत्तमः ॥ ६० ॥*

**(५६१). भगवान् - जो भग - ऐश्वर्यान परिपूर्ण आसा, तो.**

*"ऐश्वर्यमस्य समग्रस्य वीर्यस्य यशसः श्रियः । ज्ञानवैराग्ययोश्चैव षण्णां भग इतीरणा ॥"* हें पुराणवचन प्रसिद्ध आसा. ज्ञान, बल, वैराग्य इत्यादींक लागून ताका भगवंत म्हणताचि. तो गुणातीत आशिल्यान तागेले प्रति गुणांचो विचार करचें योग्य ना. जेन्नां भगवान् सर्वगुण संपन्न म्हणचांतु येता तेन्नां तो स्वंयचेयी एक विशिश्ट गुणाचो किंवा शक्तिचो अविर्भाव आसना.

**(५६२). *भगहा* - जो ऐश्वर्याक नियम घालनुं दिता, तो.**

जेन्नां भगवान आपण्याले सर्व ऐश्वर्यांचो विस्तार विश्वांतु पसरायता, तेन्नां आपण्याले मायाशक्तीक लागून विश्वांतले दर एक वस्तूचे ऐश्वर्यावयर धार्मिक सीमा घालता. उदाहरण : पृथ्वीचो धर्म धारण करचो, जलाचो धर्म प्रवाह, अग्निचो धर्म प्रज्वलित करचो आसता. भगवान हे सर्व धर्मांचो आदर्श आनी आधार आसल्यारियी तो ते धर्म नियमांन

सीमित ना. त ऋत-धर्माचे परिवर्तन करूं शक्त आशिल्यान जें सामान्य मनुष्यांक असाध्य आसता, तें परमात्माक साध्य जाता. निसर्गांतु आश्चर्यकारक, अलौकिक आनी अद्भुत अशें दिसचे प्रसंग आध्यात्मिक दृष्टीन असंभव नासताचि. शक्तिमान आनी सामर्थ्यवान आशिले परमात्माक अशक्य अशें कसलें आसूं शकता ?

## (५६३). *आनन्दी* - जो स्वानंदरूप आसा, तो.

सत्-चित्-आनंद हें भगवंताले स्वाभाविक स्वरूप आसा. *"सत्यंज्ञानमनंतं ब्रह्म । . . . आनंदो ब्रह्मेति व्यजनात् आनंदाद्ध्येव खल्विमानि भूतानि जायन्ते । आनंदेन जातानि जीवंति । आनंदं प्रयंत्यभिसंविशंतीति ॥"* - परब्रह्म सत्य, ज्ञान आनी आनंद स्वरूप किंबहुना तो आनंदचि आसता. तागेलो आनंद अन्य वस्तूंवयर अवलंबून आसनासता आनंदस्वरूप भगवंतावयर सर्व जीवांलो आनंद अवलंबून आसता.

## (५६४). *वनमाली* - कोणें वैजयन्तिमला धारण केल्या, तो.

परमात्माक लागूनचि वास्तविक विश्व निर्माण जालिल्यान तागेले शरीरांतूचि सर्व तत्वं सूक्ष्मरीतीन आसाचि. श्री शंकराचार्य वनमाली शब्दाचो अर्थ *"भूततन्मात्ररूपां वैजयन्त्याख्यां वनमालां वहन् वनमाली"* म्हण्णुं करताचि. भागवत पुराणांतु *"स्वमायां वनमालाख्यां नानागुणमयीं दधत्"* - म्हण्णुं वनमालेचें वर्णन अनेक गुणांनि आनी मायाशक्तिन परिपूर्ण म्हण्णुं केल्यां.

## (५६५). *हलायुधः* - जो नांगरातरेन संसार पुनर्जीवित करता, तो.

वनमाली नांवाचे नंतर हलायुध हें नांव येवचांतु रहस्य आसा. पुराणांतु हल हें आयुध म्हण्णुं बलरामान वापरिलें दाखयल्यां. पुण सर्व साधारण हल हें स्वेतींतलि जमीन नांगरचाक वापरताचि. *"इदं शरीरं कौन्तेय क्षेत्रमित्याभिधीयते । एतद्यो वेत्ति तं प्राहुः क्षेत्रज्ञ इति तद्विदः ॥ क्षेत्रज्ञं चापि मां विद्धि सर्वक्षेत्रेषु भारत ।"* (गीता. १३.२-३) हे शरीर क्षेत्र आनी भगवान क्षेत्रज्ञ आशिल्यान मनुष्याले अंतःकरणांतु चैतन्य जागोवनुं आध्यात्मिक बींयेचि पेरणी करचि आसल्यार तंत अशिले जड आनी क्लिष्ट विचार आनी आचारांवयर नांगर फिरोवनुं तें क्षेत्र परत सुपीक करचें पडता.

भगवद्नामाचें श्रवण, स्मरण, ध्यान आनी संकीर्तन केलिल्यान मनुष्याले जीवन चैतन्यशील जातालें. जे शस्त्र बलरामाले हातांतु संहाराचे प्रतीक जावनुं आसा तेंचि श्री कृष्णाले हातांतु आतंक दूर करनुं थंय धान्य अंकुरित करचें साधन जावनुं आसा.

## (५६६). *आदित्यः* - जो अदितीलो पूत जावनुं आसा, तो.
## (५६७). *ज्योतिरादित्य* - जो ज्योतिर्मण्डलांतलो आदित्य जावनुं आसा, तो.
## (५६८). *सहिष्णुः* - जो ज्योतिस्वरूप आसल्यारियी सहनशील आसा, तो.

आदित्य संघांतलो प्रधान पुरुष, *"आदित्यानाम् अहं विष्णुः"* म्हण्णुं श्री कृष्ण आपण्यालें वैभव सांगता. तो परमात्माचि सर्वज्ञ जावनुं मनुष्याले हृदयाकाशांतु प्रतिष्ठित आसा - *"यः सर्वज्ञः सर्ववित् यस्यैष महिमा भुवि । दिव्ये ब्रह्मपुरे ह्येष व्योमात्मा संप्रतिष्ठितः । . . हिरण्मये परे कोशे विरजं ब्रह्म निष्कलम् । तच्छुभ्रं ज्योतिषां ज्योतिः तद्यदात्मविदो विदुः ॥"* (मांडूक्योपनिषद).

पुण मनुष्याक संसाराचे सुखदुःखापासून सुटकारो ना आनी परमात्मा सदा स्वतंत्र आनी प्रकृतीचे बंधनांतल्यान मुक्त आसता. हाजे कारण श्री कृष्णानचि गीतेंतु (२.१४) सांगल्यां. *"मात्रास्पर्शास्तु कौन्तेय शीतोष्णसुखदुःखदाः । आगमापायिनोऽनित्यास्तांस्तितिक्षस्व भारत ॥"* इन्द्रियांचे सुख- दुःख येताचि वताचि. ते अनित्य आशिल्यान सहन करचि. हे श्लोकावयर श्री मध्वाचार्याले भाष्य सुंदर आसा. *"मीयन्ते इति मात्रा विषयः । तेषां स्पर्शाः संबंधाः । ते एव शीतोष्णसुखदुःखदा । देहे शीतोष्णादिसंबंधाद्धि शीतोष्णाद्यनुभवः आत्मनः । ततश्च सुखदुःखे ।"* - विषयांक मात्रा रूपान आसून ते इन्द्रियांक प्रभावित करताचि. तांगेलो स्पर्श किंवा संबंध आयिल्यान सुख-दुःखाचो अनुभव येता.

शरीराचो अनुभव आत्माक येता. तेचि सुख आनी दुःख. देकून मनुष्यान जर इन्द्रियांपासून येवचे संबंधाचे स्वरूप समजलें तर तोबी सहिष्णु जातालो आनी तागेलें मन सुखदुःखापासून विचलित जावचें ना.

**(५६९). *गतिसत्तमः* - जो उत्तम किंवा परम गतिचो अधिकारी पुरुष आसा, तो.**

परमात्माले अनंत अनुग्रहाक प्रात्र जालिले मनुष्याक स्वंयचि गति मेळता हें छांदोग्योपनिषदांतु सांगल्या *"आदित् प्रत्नस्य रेतसो ज्योतिः पश्यन्ति वासरं । परो यदिध्यते दिवा । उद्वयं तमसस्परि ज्योतिष्पश्यन्त उत्तरं । स्वः पश्यन्त उत्तरं । देवं देवत्रा सूर्यमगन्म ज्योतिरुत्तममित्यगन्म ज्योतिरुत्तममिति ॥"* - हृदयांतले आनंद दिवचि ज्योत, जी द्युलोकांपेक्षां वयरचे वैकुंठलोकांतु प्रकाश पावता, ती श्री हरिले कृपेनचि ज्ञानी जनांक दिसता. तेन्नांचि अंधतमसांतल्यान मनुष्य वयर येवनुं ज्योतिस्वरूप वासदेवाक प्राप्त करताचि.

*सुधन्वा खण्डपरशुर्दारुणो द्रविणप्रदः ।*
*दिवःस्पृक्सर्वदृग्व्यासो वाचस्पतिरयोनिजः ॥ ६१ ॥*

**(५७०). *सुधन्वा* - जो निग्रही आसा, तो.**

सामान्यतः सुधन्वा म्हळ्यार जो उत्तम धनुष्य धारण करता, तो. पुण हांगा तो अर्थ योग्य दीसनासताना श्री शंकराचार्यांनि दिल्लिलो अर्थ ज्रास्त समंजस दिसता. *"शोभनमिन्द्रियादिमयं शार्ङ्गं धनुरस्यास्तीति सुधन्वा ।"* - तागेले हातांतलो शार्ङ्ग नावंचो धनुष्य आपण्याले इन्द्रियं नियंत्रित दवरिले आत्मसामर्थ्याचें प्रतीक जावनुं आसा. देकून विष्णु हो शारंगपाणि म्हणोवनुं घेता.

**(५७१). *खण्ड परशुः* - जो काळाचे बंधनांतल्यान मुक्त आसा.**

सामान्यरीतीन परशु शब्द भार्गव परशुरामाले संबंधान वापरचांतु येता. सहस्रनाम स्मरणाचे मूल ध्येय भगवंताले वैभवाचे चिंतन करचें आसल्यारियी अंतिम ध्येय तागेले ब्रह्मतताचें मनन, चिन्तन आनी निदिध्यासन करचें आशिल्यान केवल व्यवहारिक शब्दार्थ समजून अध्यात्म साधना पूर्ण जायना. शब्दामागर्शी आशिलो गूढार्थबी समजाक जाय.

स्कंद पुराणाचो आधार घेवनुं श्री मध्वाचार्य सांगताचि - *"त्रयोऽर्थाः सर्व वेदेषु दशार्थाः सर्वभारते: । विष्णोः सहस्रनामापि निरंतरशतार्थकम् ॥"* - वेदांतले शब्दांक तीन अर्थ आसल्यार महाभारतांतले शब्दांक धा अर्थ आनी विष्णुले सहस्रनावांक निरंतर शंबरांनि अर्थ आसताचि. श्रुतींतले शब्द गूढार्थान भरिलें आसा. ***"ऋचो अक्षरे परमे व्योमन् यस्मिन् देवा अधि विश्वे निषेदुः । यस्तन्न वेद किम् ऋचा अरिष्यति य इत् तद् विदुस् त इमे समासते ॥"*** (ऋग्वेद.१.१६४.३९) ज्ञानैश्वर्य आशिले वेदाचे ऋचा जे जाणताचि तेचि पूर्ण आसताचि; जे जन तें जाणनांचि तांगेले विशय कित्तें उलोवचें ? *"एवमध्यात्मनिष्ठं हि भारतं सर्वमुच्यते । दुर्विज्ञेयमतः सर्वैभारतं तु सुरैरपि ॥"* (महाभारत तात्पर्य निर्णय). परमात्माक पूर्णरीतीन जाणचें देवांकबी साध्य ना तेन्नां सामान्य मनुष्यां विशय कित्तें उलोवचें ? पुण मनुष्याक ज्ञानसमान विंगड साधन दिल्लिलें नां. *"न हि ज्ञानेन सदृशं पवित्रमिह विद्यते । तत्स्वयं योगसंसिद्धः कालेनात्मनि विन्दति ॥"* (गीता.४.३८). देकून ज्ञानाचें माध्यमांतल्यानचि मनुष्यान विष्णुले प्रत्येक नांवांचो यथार्थ समजका.

प्रकृति कालशक्तिन प्रभावित आसल्यारियी परमात्मा कालातीत आसता. कालाचें बंधन भगवंताक नासता; प्रकृतीपासून जन्माक आयिले विश्वाक आसता. विश्व निर्माण जाले पासून लय जाय पर्यंत कालाचे खण्ड किंवा भाग पाडिले आसाचि - निमेष, काष्टा, कला, पल, दंड, मुहूर्त, दीस, आठवडे, म्हैने, ऋतु, संवत्सर, युग आनी कल्प. हे खण्ड प्रकृतिजन्य विश्वाखातीर आसाचि, परमात्मा खातीर न्हंय. तो हे खण्डापेक्षां श्रेष्ठ आसून नित्य शुद्ध स्वरूप आशिल्यान तो *खण्डपरशु* आसा.

**(५७२). *दारुणः* - जो अत्यंत भयानक स्वरूपाचो आसा, तो.**

कालाचोवी काल आशिल्यान तो भयानक दिसता. पुण असले दारुण दिसचे संदर्भांतल्यानवी नवचैतन्य जागें जाता. नाथ संप्रदायाचे गुरु गोरखनाथ *अमनस्क योग* नांवाचे तांगेले ग्रंथांतु सागताचि *"पुष्पात् प्रकाशते यद्वत् फलं पुष्पविघातकम् । देहात्प्रकाशते तत्वं तत्वं देहविनाशकम् ॥ फलं प्रकाशकं पुष्पं फलं पुष्पविनाशकम् । तत्वप्रकाशके देहस्तत्वं देहविनाशकम् ॥"* - फुलापासून फल प्रगट जाताना, फल फूलाचे विनाशाक कारण जाता ; देहांतल्यान तत्व प्रगट जाताना तत्व देहाचे विनाशाक कारण जाता. फूल फलाचो प्रकाशक आसा, फल फूलाचो विनाशक आसता ; देह तत्वाचो प्रकाशक आसता, तत्व देहाचो विनाशक आसता. हेंचि परमात्मान प्रस्थापित केल्लिें कालचक्र आसा, जें अज्ञानी जनांक दारुण अशें दिसल्यारियी तें विश्व नियमांक लागून निरंतर चल्त आशिल्यान परमात्मालें संकल्पाचे स्वरूप आसा.

### (५७३). *द्रविणप्रदः* - जो भक्तांक वैभव प्रदान करता, तो.

भक्तिचि व्याख्या परमात्मालें न समजचें वैभव समजून तें आत्मसात् करचें आसा. *"माहात्म्य ज्ञानपूर्वस्तु सुधृढः सर्वतोऽधिकः । स्नेहो भक्तिरिति प्रोक्तस्तया मुक्तिर्न चान्यथा ॥"* (महाभारततात्पर्य निर्णय)

परमात्मान दिल्लिी भक्तिचि भूख परमात्मान दिल्लिें ऐश्वर्य आसा. अहंकाराक लागून हें सत्य विसरिले देवादिदेव इन्द्रालो गर्व हरण जेन्नां श्री कृष्ण करता तेन्ना इन्द्र प्रार्थना करता *"स त्वं ममैश्वर्यमदप्लुतस्य कृतागसस्तेऽविदुषः प्रभावम् । क्षन्तुं प्रभोऽथार्हसि मूढचेतसो मैवं पुदर्भून्मतिरीश मेऽसति ॥"* - हे प्रभो ! तुगेलि शक्ति आनी प्रभावाचे समज नाशिल्यान आनी माका प्राप्त जाल्लिे ऐश्वर्याचे मदान हांवे तुगेलो अपराध केल्लिो आसा, जो कृपाद्रिश्टीन तूंवे क्षमा करनुं अज्ञान जाव न्हंय अशें करका.

ऋग्वेदांतु एक मंत्र आसा *"परि चिन्मर्तो द्रविणं ममन्याद् ऋतस्य पथा नमसा विवासेत् ।"* ऋत आनी उपासनेचो मार्ग चल्त मनुष्यान सारासार विचार करनुं धन संपादन करका. उपासनेन ज्ञानाचि प्रप्ति आनी परम तत्वाचे सम्यक् दर्शन जाता. हेंचि तें भगवंतान भक्तांक दिवचें वैभव.

### (५७४). *दिवस्पृक्* - जो भक्तांप्रति प्रकाशाचो स्पर्श करता, तो.

मोक्ष मेळ्ळेवचें म्हळ्यार मनुष्यान आपण्यालें घरदार सोडनुं विंगड एक प्रदेशाक वच्चें म्हण्णुं न्हंय. मोक्ष म्हळ्यार संसाराचे अंधःकारांतल्यान सुटकारो पावनुं भगवद् प्रकाशाचो अनुभव घेवचो आसता. *'तस्य भासा सर्वमिदं विभाति ।'* हे उपनिषद सिद्धांताचे प्रतिध्वनि *'दिवस्पृक्'* नांवांतु आयकुवचांतु येता. *"तदस्य प्रियममि पाथो अश्यां नरो यत्र देवयवो मदन्ति । उरुक्रमस्य स हि बन्धुरित्था विष्णोः पदे परमे मध्व उत्सः ॥"* (ऋग्वेद.१.१५४.५) - विष्णूक प्रिय आशिले अविनाशी स्थानांतु तागेले प्राप्तीखातीर भक्त तृप्तीचो आनंद अनुभवताचि. विष्णुले ते सर्वश्रेष्ठ स्थानांतु मधुर अमृताचे झरी व्हावता. तो भगवंत सर्वांलो हितकर्ता आनी बांधव आसा.

### (५७५). *सर्वदृग्वासः* - जो सर्वज्ञान विस्तार केल्लिो वेदव्यास जावनुं आसा, तो.

गीतेंतु (१०.३७) *"मुनीनामप्यहं व्यासः"* म्हण्णुं श्री कृष्णान आपण्यालि ओळख करनुं दिल्लिी आसा. जेन्नां अनादि आनी अनंत वेद अस्तव्यस्त पसरिले तेन्नां द्वैपायन कृष्णान ते एकत्रित केलें. देकून ताका *वि-व्यासः* (कोणें एकत्रित केलें) वेदव्यास म्हणताचि.

ज्ञानाची प्रक्रिया प्रकाश आशिल्यान वेदव्यास सर्वज्ञ आसा. *"येन त्वया भारततैलपूर्णः प्रज्वालितो ज्ञानमयप्रदीपः ।"* ताणें रचयिले महाभारतांतु धर्म, अर्थ, काम आनी मोक्ष हांचे विशय जें ज्ञान आसा, तें विंगड संपूर्ण ना आनी तांतूत जें ना तें विंगड स्वंयियी मेळचें अशें ना म्हण्णुं भारतीयांतलो विश्वास आसा - *"यदिहास्ति तदन्यत्र यन्नेहास्ति न तत् क्वचित् ।"* तें ज्ञान पूर्ण आशिल्यान ताजे नंतर रचोवचांतु आयिलीं सर्व ग्रंथं *"व्यासोच्छिष्टं जगत्सर्वं"* - व्यासांले उष्ट्यातरेन आसा, म्हणचांतु आयलें. श्री मध्वाचार्यांले विचारान श्री कृष्ण आनी वेदव्यासांशिवाय दुसरो कोणायी श्रीमन्नारायणाले नांवांचो यथार्थ समजू शकचे नांचि. - *"को हि तं वेदितुं शक्तो नारायणमनामयम् । ऋते सत्यवतीसूनोः कृष्णाद्वा देवकीसुतात् ॥"* (महाभारत तात्पर्य निर्णय).

(५७६). *वाचस्पति* - जो वाणीचो स्वामी आसा, तो.

वाणीचो उगम ॐकारापासून जालो. आनी ॐकार हो ब्रह्म आसा. *"ॐ इत्येतदक्षरमिदं सर्वं"* म्हण्णुं मांडूक्योपनिषद ब्रह्मज्ञानाचि सुरवात करता. *"ॐ इत्युक्तं तु यद् ब्रह्म तदक्षरमुदाहृतं । ओतमत्र जगदस्मादो तस्मात् भगवान् हरिः ॥"*. ॐ म्हळ्यार विश्वांतु सर्वत्र पसरिलो भगवान् श्री विष्णुचि आसा म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य स्पश्टीकरण दिताचि.

(५७७). *अयोनिजः* - कोण प्राकृतिक गर्भांतल्यान जन्म ना, तो.

मनुष्यालो जन्मातरेन भगवंतालो जन्म प्राकृतिक ना. *"अजोपि सन्नव्ययात्मा भूतानामीश्वरोऽपि सन् । प्रकृतिं स्वामधिष्ठाय सम्भवाम्यात्ममायया ॥"* (४.६) *"प्रकृतिं स्वामवष्टभ्य विसृजामि पुनः पुनः ।"* (९.८). *"वसुदेवसुतो नायं नायं गर्भेऽवसत् प्रभुः । नायं दशरथाज्जातो न चापि जमदग्नितः ॥ . . . प्रादुर्भावा हरेः सर्वे नैव प्राकृतदेहिनः । निर्दोषगुणसंपूर्णा . . . ॥"* (महाभारत तात्पर्य निर्णय). तेचि तरेन *"स्त्रीपुंमलाभियोगात्मा देहो विष्णोर्न जायते । किंतु निर्दोषचैतन्यसुखां नित्यां स्वकं तनुम् ॥"* (विष्णु तत्वविनिर्णय).

*त्रिसामा सामगः साम निर्वाणं भेषजं भिषक् ।*
*संन्यासकृच्छमः शान्तो निष्ठा शान्तिः परायणम् ॥ ६२ ॥*

(५७८). *त्रिसामा* - कोणांलि स्तुति तीन वेदांतल्यान जाता, तो.

पूर्वकालांतु केवल भगवान विष्णुली पूजा जातालि. *"भेजिरे मुनयोऽथाग्रे भगवंतमधोक्षजम् । सत्वं विशुद्धं क्षेमाय कल्पन्ते येऽनु तामिह ॥"* आनी *"वासुदेवपरा वेदा वासुदेवपरा मखाः । वासुदेवपरा योगा वासुदेवपरा क्रियाः ॥ वासुदेवपरं ज्ञानं वासुदेवपरं तपः । वासुदेवपरो धर्मो वासुदेवपरा गतिः ॥"* म्हण्णुं भागवत पुराण सांगता. जेन्नां सर्व वेद एकत्रित आसताना विष्णुलि पूजा जातालि तीचि पूजा जेन्नां वेदांचे विभाजन जाले तेन्नां विष्णुलि पूजाबी तीन वेदांतल्यान जावचाक आयलि. जेन्नां श्री विष्णु आपण्याले व्यूहांतु अभिप्रेत जाता तेन्नांबी तागेले रूपरूपांतु ताका पूजचांतु येता. *"नमो भगवते तुभ्यं वासुदेवाय धीमहि । प्रद्युम्नायानिरुद्ध नमः संकर्षणाय च ॥"* श्री मध्वाचार्यांले मतान *"न च वैष्णवशास्त्रेषु वेदेष्वपि हरेः परः । क्वचिदुक्तोऽन्यशास्त्रेषु परमो विष्णुरीरितः ॥"* - वैष्णवशास्त्रांतु किंवा वेदांतु श्री हरि पेक्षां विंगड स्वंयचोयी देव श्रेष्ठ म्हण्णुं सांगिल्लें ना.

(५७९). ***सामगः*** - कोणांले ज्ञान सामवेदांतल्यान प्राप्त जाता, तो.
(५८०). ***साम*** - जो सामवेद जावनुं आसा, तो.

ॐकारांतल्यान ध्वनि आनी ध्वनींतल्यान आनंद उद्भवता. सामवेदाचे पारायणान परम ज्ञानाचो आनंद प्राप्त जायत आशिल्यान सामवेद भगवत्स्वरूप आसा. किंबहुना साक्षात् भगवंतूचि आसा. देकून श्री कृष्ण *"वेदानां सामवेदोऽस्मि"* म्हण्णुं आपण्याली ओळख्व करनुं दिता.

जेन्नां भौतिक पातळीवयलो मनुष्य अन्नमय, प्राणमय, मनोमय, विज्ञानमय आनी आनंदमय कोश पार करनुं पेल्तडेन वता तेन्ना तागेले सर्व कामना परिपूर्ण जावनुं अप्रतिम आनंदाचो अनुभव 'हावु हावु हावु' म्हणत साम गान करनुं घेता म्हण्णुं तैत्तिरीयोपनिषद सांगता.

(५८१). *निर्वाणं* - कोणाक प्राकृत शरीर ना, तो.

परमानंदाचें स्वरूपाचें वर्णन *"विहाय कामान् यः सर्वान् पुमांश्चरति निस्पृहः । निर्ममो निरंहकारः स शांतिमगच्छति ॥ एषा ब्रह्मी स्थितिः पार्थ नैनां प्राप्य विमुह्यति । स्थित्वाऽस्यामंतकालेऽपि ब्रह्म निर्वाणमृच्छति ॥"* म्हण्णुं गीतेंतु (२.७१-७२) केलिलो आसा.

सर्व विषयवासना मनापासून त्याग करनुं, भोगचे वस्तु आपण्याले स्वतःचे नासताना ते भगवंताले अनुग्रहाक लागून प्राप्त जालिले आसाचि म्हण्णुं जो मानता तोचि मोक्षाक पात्र जाता म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य उपदेश करताचि.

*"निर्वाणं अशरीरं । कायो वाणं शरीरं च इत्यभिधानात् । . . . निर्वाणशब्दप्रतिपादनं अनिन्द्रियाः इत्यादिवत् ।"* - *निर्वाणं* म्हळ्यार शरीर नाशिलो. *'काय'*, *'वाण'*, *'शरीर'* हे शब्द समानार्थान वापरचांतु येताचि. तेचि तरेन *'निर्वाण'* शब्द आनी *'अनिन्द्रिय'* शब्द आसाचि. परामात्माक प्राकृत किंवा भौतिक शरीर ना; शरीरचि ना म्हण्णुं न्हंय म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य मानताचि *"यदि रूपं न स्यात् आनंदं इत्येव स्यात् ।न तु आनंदरूपं इति । कथं च सुवर्णरूपत्वं स्यात् अरूपस्य ।"* जर ताका शरीर ना तर ताका रूप स्वंयचान आसतालें ? जर ताका शरीर ना तर ताका *आनंदं* म्हणताशिले, *आनंदरूपं* न्हयं. जर तो *अरूप* आशिलो तर तो *सुवर्णमय* कशीं जाताशिलो ?

देकून निर्वाण म्हळ्यार प्राकृत किंवा भौतिक शरीर नासताना सूक्ष्म रूपाचो म्हण्णुं समजका.

(५८२). *भेषजं* - जो औषधातरेन गुणकारक आसा, तो.
(५८३). *भिषक्* - जो संसारतापत्रय नाश करचो वैद्य आसा, तो.

संसार तापत्रयं नाश करचो वैद्य आनी बरें करचें औषधबी परमात्मा आसा. ऋग्वेदांतु (२.३३.४) परमात्माक *"भिषक्तमं त्वा भिषजां श्रुणोमि ।"* - वैद्यांतु सर्वश्रेष्ठ वैद्य आसून तूं सर्वाले रक्षण करता.

(५८४). *सन्यासकृत्* - जो भक्ताक आसक्त वृत्तींतल्यान मुक्त करता, तो.

ब्रह्मचर्य, गृहस्थ, वानप्रस्थ आनी संन्यास हीं जविनांतलिं चार आश्रमं आसाचि. हांगा संन्यास म्हळ्यार यतिलो आश्रम म्हण्णुं अर्थ करनासताना *"संन्यासः कर्मयोगश्च निःश्रेयसकरावुभौ । तयोस्तु कर्मसंन्यासात् कर्मयोगो विशिष्यते ॥"* (गीता. ५.२) श्री कृष्णान दिलिलो अर्थ समंजस म्हण्णुं स्वीकारका.

*"नायं सन्यासो यत्याश्रमः । द्वंद्वत्यागात्तु संन्यासात् मत्पूजैव गरीयसि ।"* यति जावचें न्हंय तर राग-द्वेष त्याग करचें म्हण्णुं सन्यास शब्दाचो अर्थ श्री मध्वाचार्य सांगताचि. *"ज्ञेयः स नित्यसंन्यासी यो न द्वेष्टि न कांक्षति ।"* (गीता.५.३).

(५८५). *शमः* - कोण मनाचे वेगाक रोध लायता, तो.

जेन्नां इन्द्रियांचे आकर्षणान मन चलविचल जाता तेन्नां इन्द्रियांचे जाग्यार परमात्मालें अधिष्ठान केल्यार मनाचि चंचल वृत्ति शांत जाता. पातंजल योगांतु व्याख्या आसा, *"योगश्चित्तवृत्तिनिरोधः ।"*

*"नाविरतो दुश्चरितात् नाशांतो नासमाहितः । नाशांतमानसो वाऽपि प्रज्ञानेनैनमाप्नुयात् ॥ विज्ञानसारथिर्यस्तु मनःप्रग्रहवान् नरः । सोऽध्वनः पारमाप्नोति तद्विष्णोः परमं पदम् ॥"* - विज्ञान हो सारथी आनी मन लगामाक बांदिले दोरियो म्हण्णुं जो मनुष्य मानता तोचि श्री विष्णुलें परमपद प्राप्त करता म्हण्णुं कठोपनिषद सांगता.

(५८६). *शान्तः* - जो शांतस्वरूप आसा, तो.
(५८७). *निष्ठा* - कोणांले विचार-आचारांतु अंतर ना, तो.
(५८८). *शान्तिः* - कोणांलि स्थिती क्लेषरहित आसा, तो.
(५८९). *परायणम्* - कोणांले स्थान परमोत्कृष्ट आसा, तो.

जो संसाराचे तापत्रयं शांत करता, जन्म-मरणाचे कालचक्र अंत करता, तोचि कलारहित, क्रियारहित आनी शांतस्वरूप परमात्मा आसा. जो मनुष्य संकल्प-विकल्पांशिवाय आसता तोचि सर्व आसक्तिपासून मुक्त आसता. *"अनाश्रितः कर्मफलं कार्यं कर्म करोति यः । स सन्यासी च योगी अ न निरग्निर्न चाक्रियः ॥"* (गीता.६.१). हे निष्ठेकचि भगवन्निष्ठा म्हणताचि. *"ये त्वां पश्यंति भगवंस्त एव सुखिनः परं । तेषामेव तु सम्यक् समाधिर्जायते नृणां ॥ भोक्तव्यकर्मण्यक्षीणे जपेन कथयापि वा । वर्तयंति महात्मनः त्वद्भक्तास्त्वत्परायणाः ॥"*.

*शुभाङ्गः शान्तिदः स्रष्टा कुमुदः कुवलेशयः ।*
***गोहितो गोपतिर्गोप्ता वृषभाक्षो वृषप्रियः ॥ ६३ ॥***

(५९०). *शुभाङ्गः* - कोणाले शरीराचे प्रत्येक अंग शुभस्वरूप आसाचि, तो.

परमात्माले शरीर हें सामान्य शरीर नासताना अनंतगुणांन आनी गूढार्थांन परिपूर्ण आसा. देकून असले शुभ आनी कल्याणकारी अंगाविशय उलयताना सूत पूज्य भावनेन उद्गार काडता *"नमस्कृत्य गुरून् वक्ष्ये विभूतिर्वैष्णवीरपि । याः प्रोक्ता वेदतंत्राभ्यामाचार्यैः पद्मादिभिः ॥"* *"एतद् वै पौरुषं रूपं भूः पादौ द्यौः शिरो नभः । नाभिः सूर्योऽक्षिणी नासे वायुः कर्णो दिशः प्रभोः ॥ प्रजापतिः प्रजननमपानो मृत्युरीशितुः । तद्बाहवा लोकपाला मनश्चन्द्रो भ्रुवो यमः ॥ लज्जात्तरोऽधरो लोभो दन्ता ज्योत्स्ना स्मयो भ्रमाः । रामाणि भुरुहा भूम्नो मेघाः पुरषमूर्धजाः ॥"* - कोणांले स्वरूपांतु पृथ्वी तागेले पाय, अंतरिक्ष शिर, आकाश बेंबली, सूर्य दोळे, वायु नांक, दिशा कान, प्रजापति शिश्न, मृत्यु गुदद्वार, लोकपाल तागेले खांदे, चंद्र मन, यम भोंवयो, लज्जा वयलें बोंट आनी लोभ सकयलें, चांदणें तागेले दांत, माया हास्य, वनस्पति केस, आनी मेघ माथ्यावयले कुरळे केस आसाचि असले परमात्माक नमस्कार. मनुष्याले अवयवांचे एकमेकांतले अंतर जें आसता, तेंचि अंतर हे महान् पुरुषाले अवयवांतु आसा.

श्री मध्वाचार्य *"अदेहो देहवांश्चैकः प्रोच्यते परमेश्वरः । अप्राकृतशरीरत्वददेह इति कथ्यते । शिरश्चरणबाह्वादिविग्रहोऽयं स्वयं हरिः । स्वस्मान्नान्यो विग्रहोऽस्य ततश्चादेह उच्यते ॥ स्वयं स्वरूपवान् यस्मात् देहवांश्चोच्यते ततः । शिरश्चरणबाह्वादिः सुखज्ञानादिरूपकः ॥ स च विष्णोर्न चान्योस्ति यस्मात् सोऽचिंत्यशक्तिमान् ।"* - देह आशिलो, देह नाशिलो हे तरेन एकचि एक परमात्माविशय श्रुति सांगता. अप्राकृत आशिल्यान तो अदेही आसा. स्वतःचे स्वरूपाशिवाय विंगड कांयी नासताना मस्तक, पाय, हात हे सर्व श्री हरीचि जावनुं आसा. स्वतःचे स्वरूप आशिल्यान तो देही आनी तागेले अवयव सुख आनी ज्ञानस्वरूप आसाचि. अचिन्त्यरूपाचो तो श्री विष्णूचि आसून विंगड कोणियी न्हंय.

*"एकमेवाद्वितीयं तत् नेह नानास्ति किंचन । . . . मत्सकूर्मादिरूपाणां गुणानां कर्मणामपि । तथैवायवानां च भेदं पश्यति यः क्वचित् त्रत्र भेदाभेदौ च यः पश्यंत् स याति तम एव तु । पश्येदभेदमेवैषां बुभूषुः पुरुषस्ततः ॥ . . . प्रादुर्भावादिरूपेषु मूलरूपेषु सर्वशः । न विशेषोऽस्ति सामर्थ्ये गुणेष्वपि कदाचन ॥"* - तो विष्णु अद्वितीय आसून तागेल्यांतु कसलोयी भेद ना. . . तागेले अवताररूपांतु, गुणांतु, कर्मांतु किंवा अवयवांतु भेद, भेद-अभेद पोळेवचो मनुष्य अज्ञानी आसा. परमात्माले निजस्वरूप ज्ञाणतले अभेद पळयताचि. . . परमात्माले मूलरूपांतले आनी अवताररूपांतले सामर्थ्य किंवां गुणांतु कसलोयी अंतर ना.

देकून भागवत पुराणांतु सांगल्यां *"खं वायुमग्निं सलिलं महीं च ज्योतिषीं सत्वानि दिशो द्रुमादीन् । सरित् - समुद्रांश्च हरेः शरीरं यत्किंच भूतं प्रणमेदनन्यः ॥"* - कोणांले अवयव आकाश, वायु इत्यादि आशिले श्री हरीक अनन्य भावनेन प्रणाम करका.

(५९१). ***शान्तिदः*** - जो शान्ति प्रदान करता, तो.
(५९२). *स्रष्टा* - जो साधको जीवन सर्जनशील करता, तो.
(५९३). *कुमुदः* - जो कमलातरेन निर्मल आनी कल्याणदायी आनंद दिता, तो.

परमात्माले हे अद्वितीय स्वरूप जाणचो मनुष्य अव्ळ्य ज्ञानी आसून तागेलें कार्य सर्जनशील, कमलातरेन निर्मल आनी कल्याण दिवचें तसलें आसून ताका परमोच्च शान्ति प्राप्त करता. "*भोक्तारं यज्ञतपसां सर्वलोकमहेश्वरम् । सुहृदं सर्वभूतानां ज्ञात्वा मां शान्तिमृच्छति ॥*" (गीता.५.२९).

(५९४). **कुवलेषय: - जो विश्व प्रलयानंतर शेषावयर शयन कता, तो.**

जेन्नां निर्माण-स्थिती-लयाचे चक्रांतल्यान विश्वाचे काल संपता तेन्नां सर्व जीव आनी जगत् परत श्रीमन्नारायणाले हृदयांतु आश्रय घेताचि. प्रलयानंतर जें कांय आसता तेंचि शेषशयन - म्हळ्यार अस्थेर आसचे विश्रान्ति स्थान आसा. तें शेषशयन जल हे अव्यक्त तत्वांतु, उदकाचे प्रतीकस्थान अनंत सागरांतु आसता. नित्य, निरंतर चलचे निर्माण-स्थिती-लय कार्याचे सुप्तावस्थेंतलें प्रतीक प्रवाहरूपी जल आसून नवी सृष्टी निर्माण जाय पर्यंत तांतूत श्रीमन्नारायणान योगनिद्रेंतु आसचें यथार्थ आसा.
(५९५). ***गोहित:*** - जो ज्योति किरणांचे हित चिंतन करता, तो.
(५९६). ***गोपति:*** - जो ज्योति किरणांचो स्वामी आसा, तो.
(५९७). ***गोप्ता:*** - जो ज्योति किरणांचो रक्षण करता, तो.

*'गो'* म्हळ्यार ज्योतिचे, प्रकाशाचे किरण, इन्द्रिय आनी पृथ्वी म्हण्णुं वेदांतु अर्थ करचांतु आयला. ऋग्वेदांतले पुरुषसूक्तांतु वापरिले सहस्रशीर्ष, सहस्राक्ष, सहस्रपात् हे शब्द विष्णुले व्यापक चिंतन, दृष्टी आनी कर्तुत्वशक्तीचें प्रतीक जावन आसाचि हें ध्यानांतु येवचें तशें आसा. "*स भूमीं विश्वतो वृत्वात्यतिष्ठतद्दशाङ्गुलम् ।*" (१०.९०.१) - तो विश्व व्यापून अजून शेष आसता. "*इदं विष्णुर्वि चक्रमे त्रेधा नि दधे पदम् । समूळ्हमस्य पांसुरे ।*" (१.२२.१७) - विष्णून तीन लोक पादक्रमण करनुं सर्व प्रकाशान व्यापून काडल्यां. "*यस्य त्री पूर्णा मधुना पदान्यक्षीयमाणा स्वधया मदन्ति ।*" (१.१५४.४) - तागेलिं मधुर अमृतमय तीन पावलं जनांक आश्रय आनी आनंद दिताचि. "*तद्विष्णो: परमं पदं सदा पश्यन्ति सूरय: ।*" (१.२२.२०) - ते विष्णुले परमोत्कृष्ट स्थान ज्ञानी जन सर्वकाल पळ्यताचि. "*वेदाहमेतं पुरुषं महान्तमादित्यवर्णं तमस: पुरस्तात् । तमेव विदित्वाऽतिमृत्युमेति नान्य: पन्था विद्यतेऽयनाय ॥*" - तें स्थान पळयिलो ज्यां सूर्य प्रकाशाचे पेल्तडेन आशिले ते महान् पुरुषाले स्थान पळयिलो ऋषी तें मेळोवचाक विंगड मार्ग ना म्हण्णुं उद्गार काडता.

(५९८). ***वृषभाक्ष:*** - कोणांलि दृष्टी धर्मरूपी आसा, तो.
(५९९). ***वृषप्रिय:*** - **कोणाक धर्माविशय अत्यंत प्रीति आसा, तो.**

धर्माचें नियमं घालनुं तांचे रक्षण करचें परमात्माले कार्य आसून तांचे विशय तो अत्यंत दक्ष आसता. धर्म ज्यांचो स्वभाव आसून तांचे विशय तागेलि निष्ठा आनी प्रीति असामान्य आसा.

*अनिवर्ती निवृतात्मा संक्षेप्ता क्षेमकृच्छिव: ।*
*श्रीवत्सवक्षा: श्रीवास: श्रीपति: श्रीमतांवरा ॥ ६४ ॥*

(६००). *अनिवर्ती* - जो केन्नांयी माघार घेना, तो.

परमात्माले कालचक्र सतत आनी निरंतर चलत आसता - निर्मिती-स्थिती आनी लय. परमात्माले हे कार्यांतु खंड ना. श्रीमन्नारायण अनंत सागरांतु योगनिद्रेंतु आसल्यारियी तागेले काळ्जांतलो ॐकार सृजनशील संकल्पान सतत स्पंदित आसता.

**(६०१). *निवृत्तात्मा* - जो प्रलय कालानंतर सर्व जीव-जगत्चे परत येवचें स्थान जावनुं आसा, तो.**
**(६०२). *संक्षेप्ता* - जो प्रलय कालानंतर सर्व जीव-जगतांतलें चैतन्य आपण्यांतु समावेश करता, तो.**

*"सोऽन्तःशरीरेऽर्पितभूतसूक्ष्मः कालात्मिकां शक्तिमुदीरयाणः । उवास तस्मिन् सलिले पदे स्वे यथानलो दारुणि रुद्धवीर्यः ॥"* - जे तरेन जळचो उजो शांत जाल्यारियी लाकडांतलि अग्नि सुप्तावस्थेंतु आसता ते तरेन विश्वप्रलय जाल्यारियी जीव-जगत् परमात्माले अंतशरीरांतु सूक्ष्मरीतीन परत प्रस्थापित जाताचि. देकून विष्णु *निवृतात्मा* जावनुं आसा. आनी विक्षेपित जालिले जीव-जगत् परत तागेल्यांतु समावेश किंवा संक्षिप्त जायत आशिल्यान तो ***संक्षेप्ता*** आसा.

परब्रह्मालि दिवस-रात्र म्हळ्यार विश्वाचे निर्माण आनी लय आसा. *"अव्यक्ताद् व्यक्तयः सर्वाः प्रभवंत्यहरागमे । रात्र्यागमे प्रलीयन्ते तत्रैवाव्यक्तसंज्ञके ॥"* (गीता.८.१८) श्री मध्वाचार्य भाष्य करताचि *"अव्यक्तो भगवान् - यं प्राप्य न निवर्तन्ते इति . . अव्यक्तं परमं विष्णुं इति प्रयोगाच्च . ."* - *अव्यक्त* परमात्माक प्राप्त केलिलो जीव संसारांतु परत येना. परमात्माक *निवर्तन* जावचें म्हळ्यार आपण्यांतु संक्षिप्त करचें आसा.

**(६०३). *क्षेमकृत्* - कोण शरण आयिलें भक्तांले क्षेमाचि इच्छा करता, तो.**

*"यो यो यां यां तनुं भक्तः श्रद्धयार्चितुमिच्छति । तस्य तस्याचलां श्रद्धां तामेव विदधाम्यहम् ॥" "प्रतिजानीहि न मे भक्तः प्रणश्यति ।" "सर्वधर्मान्परित्यज्य मामेकं शरणं व्रज । अहं त्वा सर्वपापेभ्यो मोक्षयिष्यामि मा शुचः ॥"* म्हण्णुं गीतेंतु (७.२१; ९.३१; १८.६६) श्री कृष्ण शरण आयिले भक्तांक रक्षण करचि इच्छा दाखयता.

**(६०४). *शिवः* - कोणाक भक्तांविशय शुभ संकल्प आसाचिछ तो.**

भगवंत दर एक मनुष्यालें हृदयांतु निवास करनुं तागेले सर्वांगी विकासाखातीर शुभ संकल्प येवजीत आसता. आनी परमात्माले आधाराशिवाय उद्धार जावचो ना म्हळ्ळे विश्वास आशिलो साधक देवांले शुभ संकल्पांखातीर प्रार्थन करता *"ॐ शं नो मित्रः शं नो भवन्ति अर्यमा शं नो इन्द्रो ब्रहस्पतिः शं नो विष्णोर् उरुक्रमः ।"* इत्यादि.

(६०५). ***श्रीवत्सवक्षः*** - कोणाले छातीवयर श्री लक्ष्मी निवास करता.
(६०६). ***श्री वासः*** - कोणालागीं श्री, ऐश्वर्य आनी वैभव सदा निवासित आसता, तो.
(६०७). ***श्री पतिः*** - जो श्री शक्तिचो स्वामी आसाछ तो.
(६०८). ***श्रीमतां वरः*** - कोण सर्वांक कांति प्रदान करता, तो.

लक्ष्मी देवीलें निवासस्थान समुद्र आसा. देव आनी दानवांले समुद्र मंथना नंतर ती उदकांतल्यान वयर येता. समुद्र तिगेलो जन्मस्थान म्हणचांतु रहस्य आसा. जे तरेन व्हांवचि झरी प्रगतीचें प्रतीक जाता आनी स्थिर उदकाक दुर्गंध येता तेचि तरेन व्यापारांतु माध्यम जावचें धन श्री, लक्ष्मी म्हण्णुं घेवनुं प्रगतीचे लक्षण जाता आनी वापरनासताना तिजोरींतु आसचें धन अलक्ष्मीचें रूप घेवनुं संसाराचो व्यवहार उध्वस्थ करता.

लक्ष्मी म्हळ्यार कांति, तेज, वैभव, सुख. जर लक्ष्मीले दोळ्यांतु दया, करुणा, आत्मीयता ना तर ती लक्ष्मी मनुष्याक अत्यंत दारुणावस्थेकडे हाडूं शक्ता. देकून *श्रीसूक्तांतु* तिगेलि प्रार्थन केलिली आसता - *"गन्धद्वारां दुराधर्षां नित्यपुष्टां करीषिणीम् । ईश्वरीं सर्वभूतानां तामिहोपह्वये श्रियम् ॥ मनसः काममाकूतीं वाचः सत्यमशीमहि । पशूनां रूपमन्नस्य मयि श्रीः श्रयतां यशः ॥ . . . आर्द्रां पुष्करिणीं पुष्टिं पिङ्गलां पद्ममालिनीम् । सूर्यां हिरण्मयीं लक्ष्मीं जातवेदो*

*म आवह ॥"* - सुगन्धयुक्त, नित्य स्फुरण करचि, मन प्रगतिशील करचि, उत्रांतु सत्य, अन्न, शक्ति आनी यश प्रदान करचि, सहृद लक्ष्मी आपण्याले घरांतु येवूं.

श्री लक्ष्मीन भगवंताले वक्षस्थळावयर बसचांतु रहस्य दास्वयता. विष्णुले किंगर्ळीतल्यान धर्तरेवयर आयिली गंगान आपण्याले अहंकाराक लागून शिवाले मस्तकावयर बसचें धाडस केल्यार लक्ष्मीन आपण्यालें सीमित शक्ति आनी श्री विष्णुलें समग्र ऐश्वर्याचे ज्ञानाक लागून परमात्माले अनुकंपेचें, करुणा, दया, प्रेम, कृपा आनी अनुग्रहाचें उच्च केन्द्र जावनुं आशिलें वक्षस्थळावयर विराजमान जाता. *"श्रयते हरिम् इति श्रीः ।"*

मस्तक हें बुद्धि आनी अहंकाराचो जागो आसल्यार वक्षस्थळ सुहृद आनी कल्याण प्रदान करचें स्थळ आसता. असले समंजस लक्ष्मीदेवीलो स्वामी जावचांतु कदाचित् श्री विष्णुबी धन्य जालिलो आसूयेत ! कारण *'श्री'* एक शब्दांतु भाग्यवान्, ऐश्वर्यवान्, वैभवसंपन्न, सौभाग्यसंपन्न, सौंदर्यसंपन्न, उदारता हे सर्व अर्थ समावेश जालिले आसाचि. असले श्री शक्तिक लागूनचि विष्णुक श्रीलक्ष्मीनारायण म्हण्णुं संबोधन करताचि.

*श्रीदः श्रीशः श्रीनिवासः श्रीनिधिः श्रीविभावनः ।*
*श्रीधरः श्रीकरः श्रेयः श्रीमाँल्लोकत्रयाश्रयः ॥ ६५ ॥*

(६०९) ***श्रीदः*** **- जो श्री - वैभव प्रदान करता, तो.**
(६१०). ***श्रीशः*** **- जो श्री - वैभवाचो स्वामी आसा, तो.**
(६११). ***श्रीनिवासः*** **- जो श्री - वैभवाचें निवासस्थान आसा, तो.**
(६१२). *श्रीनिधिः* - जो श्री - वैभवाचे भाण्डार आसा, तो.
(६१३). *श्रीविभावनः* - जो श्री - वैभवाचें विभाजन करता, तो.
(६१४). *श्रीधरः* - जो श्री - वैभव धारण करता, तो.
(६१५). *श्रीकरः* - जो श्रीले गुणं - कीर्ति, वाणि, स्तुति, बुद्धि, धृति आनी क्षमा - उन्नत स्वरुपाक हाडता, तो.
(६१६). *श्रेयः* - जो श्री - वैभव प्रदान करता, तो.
(६१७). *श्रीमान्* - जो वैभवशाली आसा, तो.
(६१८). *लोकत्रयाश्रयः* - जो तीन लोकांक श्री - वैभवाचें आश्रय दिता, तो.

श्री - लक्ष्मी तेजाचि प्रतीक जावनु आसा. ते तेजाचे सहवासाक लागून सर्व विश्वाचि प्रगति, उत्थान, वैभव आनी सर्वैश्वर्य प्रदान केलिले परमात्माले वर्णन करचीं हीं नांवं आसाचि. विष्णुलें सर्वव्यापकत्व दास्वोवचे गीतेंतले हे श्लोकावयल्यान श्री आनी विष्णुलो निकट संबंध स्पश्ट जाता. *"यद् यद् विभूतिमत् सत्वम् श्रीमद् ूर्जितम् एव वा । तद् तद् एवावगच्छ त्वं मम तेजोंऽशसंभवम् ॥" (१०.४१).*

*स्वक्षः स्वङ्गः शतानन्दो नन्दिर्ज्योतिर्गणेश्वरः ।*
*विजितात्माऽविधेयात्मा सत्कीर्तिश्छिन्नसंशयः ॥ ६६ ॥*

(६१९). *स्वक्षः* - **कोणांले दोळे सुशोभित आसाचि, तो.**

भागवत पुराणांतु परमात्माले दोळ्याचें वर्णन *'पद्मगर्भारुक्षणम्'* - कमलाचे भितरले तांबूस रंगातरेन आसा म्हळां. तांबूस रंग वैभव आनी शुभ, मांगल्य आनी सौभाग्याचें लक्षण आसा. म्हणून मनुष्यान *"कृपयातिघोरतापत्रयोपशमनाय निसृष्टमक्ष्योः । स्निग्धास्मितानुगुणितं विपुलप्रसादं ध्यायेच्चिरं विततभावनया गुहायाम् ॥"* साधना करका. जेन्नां मनुष्य संसाराचे तापत्रय शमन जावचे स्वातीर भक्तिपुर्वक भगवंतालि कृपादृष्टीचें ध्यान धरता, तेन्नां ते दोळ्यांतु अनुग्रहाशिवाय विंगड कांयी दिसचें ना.

### (६२०). *स्वङ्गः* - कोणांले अवयव सुशोभित आसाचि, तो.

भगवंताले दोळे मात्र न्हंय तर तागेलें प्रत्येक अवयव सद्गुणांनि सुशोभित आसाचि. देकून अर्जुन सहर्ष *"नमः पुरस्तादथ पृष्ठतस्ते नमोऽस्तु ते सर्वत एव सर्व । अनन्तवीर्यामितविक्रमस्त्वं सर्व समाप्नोषि ततोऽसि सर्वः ॥"* म्हण्णुं गीतेंतु (११.४०) उद्गार काडता.

### (६२१). *शतानंदः* - जो सहस्रपटीन आनंदस्वरूप आसा, तो.

परामात्मान आनंदस्वरूपादें गणीत साधारण मनुष्याले आनंदाचि उपमा दीवनुं जायना. आनंदाचि मिमांसा करताना तैत्तिरीयोपनिषद सांगता कीं सामान्य मनुष्यापासून चतुर्मुख ब्रह्मापर्यंत एका पेक्षां एकल्याले आनंद हजार पटीन ज्ञास्त आसता. आनी कोणाले अनुग्रहाक लागून सर्व जीवगण आप-आपण्याले सीमित आनंदाचो अनुभव घेताचि. *"यतो वाचो निवर्तन्ते अप्राप्य मनसा सह । आनंदं ब्रह्मणो विद्वान् । न बिभेति कुतश्चनेति । एतगं ह वाव न तपति । किमहगं साधु नाकरवं । किमहं पापमकरमिति ।"* (तैत्तिरीयोपनिषद) - जें स्थान प्राप्त जायनासताना वाणी मनासयत परत फिरता थंय अभय आनी परमानंदाचो अनुभव जाता. तेन्नां, 'हांवे कसल्याक पुण्य केलें ना; हांवे पापकर्म कसल्याक केलिं ?' असले प्रश्ने तागेले मनांतु येनांचि.

### (६२२). *नंदी* - जो आनंदमय आसा, तो.

तैत्तिरीयोपनिषदांतु परब्रह्मालें आनंदस्वरूपाचें वर्णन *"रसो वै सः । रसग् ह्येवायं लब्ध्वाऽऽनंदी भवति । कोह्येवान्यात् कः प्राण्यात् यदेष आकाश आनंदो न स्यात् । एष ह्येवानंदयाति ॥"* म्हण्णुं केल्यां. तो स्वतः रसमय आसा. तो आनंद प्राप्त करनूंचि सर्व विश्व आनंदाचो अनुभव घेता.

### (६२३). *ज्योतिर्गणेश्वरः* - जो सर्व ज्योतींतु श्रेष्ठ आसा, तो.

हे विश्वांतु तेजाचे सहस्रानुसहस्र केन्द्र आप-आपण्याले तेजाचो प्रकाश फैलायत नभमण्डलांतु परिक्रमण करत आसाचि. ते ज्योतिर्मण्डलांतले तसले निष्कलंक परमश्रेष्ठ तेज आत्मज्ञानी जाणताचि. *"हिरण्मये परे कोशे विरजं ब्रह्म निष्कलम् । तच्छुभ्रं ज्योतिषां ज्योतिः तदयदात्मविदो विदुः ॥"* (मुण्डकोपनिषद). श्री मध्वाचार्य स्पश्टायताचि *"ब्रह्माण्डमध्यगो नित्यं तपत्येष रवौ स्तियः ।"* - ब्रह्माण्डा मध्ये श्री हरि नित्य आसून समस्त विश्व प्रकाशिता. *"तमेव भांतमनु भाति सर्वं तस्य भासा सर्वमिदं विभाति ॥"*. तो प्रकाश पावले नंतरचि सर्व कांय प्रकाश पावता.

### (६२४). *विजितात्मा* - कोणें सर्वांले आत्मावयर विजय मेळ्यला, तो.

परमात्माविशय संपूर्ण ज्ञान आपण्याक प्राप्त जाल्यां म्हण्णुं समजचो मनुष्याक वास्तविक कांयी ज्ञान आसना. जो मनुष्य जाणता कीं परमात्मालें ज्ञान सामान्य अकलन शक्तिभायर आसा तोचि परमात्माले खरें स्वरूपाचि जाणता. *"यदि मन्यसे सुवेदेति दहरमेवापि नूनं त्वं वेत्थ ब्रह्मणो रूपम् । . . . मन्ये विदितं नाहमन्ये सुवेदेति नो न वेदाति वेद च ।"* (केनोपनिषद).

परमात्मा सर्व आत्मांक प्रवृत्त करत आशिल्यान सर्वांवयर तागेलें प्रभुत्व आसता. *"सर्वेषां च हरिर्नित्यं नियंता तद्वशाः परे ।"* (भागवत तात्पर्यनिर्णय). सर्वांले अंतरात्मांतु आशिलो परमात्माचि सर्व जीवांलो अधिपति आसता.

### (६२५). *अविधेयात्मा* - जो विधि-निषेधांचे पेल्तडेन आसा, तो.

परमात्मान सृष्टी निर्माण जाले नंतर जीं विधी-नियमं, आचार-विचार, धर्म-अधर्मांचे मूल्यं निर्धार केलीं ते विधिनियमांचे प्रतिबंधन ताका आसना. ताका जे ताका शरण यताचि तांका सुद्धां ते विधिनियमांचे बन्धन आसना. देकून श्री कृष्ण अर्जुनाक प्रोत्साहित करता, *"सर्वधर्मान्परित्यज्य मामेकं शरणं व्रज ।"* जेन्नां साधकाले भक्तीक लागून भगवंत आपण्याले भक्तांवयर प्रेमाचें आवरण पांगुरता तेन्नां भक्त निर्भय आसता.

### (६२६). *सत्कीर्तिः* - कोणांलि कीर्ति सत्य स्वरूप आसा, तो.

ऋग्वेदांतु विष्णुले कीर्तिचि महिमा जाग्यान जाग्यार गायिली आसा. *"विष्णोर्नु कं वीर्याणि प्र वोचं यः पार्थिवानि विममे रजांसि । यो अस्कभायदुत्तरं सधस्थं विचक्रमाणस्त्रेधोरुगायं ॥"* (१.१५४.१). *"यः पूर्वाय वेधसे नवीयसे सुमज्जानाय विष्णवे ददाशति । यो जातमस्य महतो महि ब्रवत् सेदु श्रवोभिर्युज्यं चिदभ्यसत् ॥"* (१.१५६.२). *"तमु स्तोतारः पूर्व्यं यथा विद ऋतस्य गर्भं जनुषा पिपर्तन । आस्य जानन्तो नाम चिद्विवक्तन महस्ते विष्णो सुमतिं भजामहे ॥"* (१.१५६.३).

श्री मध्वाचार्य श्री विष्णुले सर्वपुरुषोत्तम तत्वावयर व्याख्या करताना म्हणताचि : *"ऋगाद्या अपरा विद्या यदा विष्णोर्नु वाचकाः । ता एव परमा विद्या यदा विष्णोस्तु वाचकाः ॥ . . . वेदे रामायणे चैव पुराणे भारते तथा । आदावंते च मध्ये च विष्णुः सर्वत्र गीयते ॥ . . . यं वाकेष्वनुवाकेषु निषत्सूपनिषत्सु च । स्तुवंति सत्यकर्माणं सत्यं सत्येषु सामसु ॥"* (मांडूकोपनिषद्भाष्य).

### (६२७). *छिन्नसंशयः* - कोणाले ज्ञान प्राप्त जालिल्यान संसारांतले सर्व संशय परिहार जाताचि, तो.

*"परीक्ष्य लोकान् कर्मचितान् ब्राह्मणो निर्वेदमायान्नास्त्यकृतः कृतेन । तद्विज्ञानार्थं स गुरुमेवाभिगच्छेत् समित्पाणिः श्रोत्रियं ब्रह्मनिष्ठम् ॥"* काम्यकर्म केलिल्यान नित्य आनी उपयोजक स्थान मेळनां म्हण्णुं जाणचें ज्ञानी जन वैराग्य भावनेन ज्ञानसाधने खातीर हात जोडनुं ब्रह्मज्ञानीं लागीं वताचि. *"यदा पश्यः पश्यते रुक्मवर्णं कर्तारमीशं पुरुषं ब्रह्मयोनीम् । तदा विद्वान् पुण्यपापे विधूय निरंजनः परमं साम्यमुपैति ॥"* - जीव जेन्नां भांगराचे रंगाचे, विश्व निमाण करचे परब्रह्माक पळयता तेन्नां तो ज्ञानी मनुष्य सर्व पाप-पुण्य धूंवनुं कसलेयी वैगुण नासताना परमात्मालें दर्शन करता. *"भिद्यते हृदयग्रंथिः छिद्यन्ते सर्वसंशयाः । क्षीयन्ते चास्य कर्माणि तस्मिन् दृष्टे परावरे ॥"* - ते तरेन दर्शन जालें कीं तालेलीं सर्व कर्म नाश जाताचि, काळजांतलीं सर्व बन्धनं तुटताचि आनी अज्ञानान निर्माण जालिले सर्व संशय नाश जाताचि.

*उदीर्णः सर्वतश्चक्षुरनीशः शाश्वतस्थिरः ।*
*भूशयो भूषणो भूतिर्विशोकः शोकनाशनः ॥ ६७ ॥*

### (६२८). *उदीर्णः* - जो उत्कृष्ट किंवा श्रेष्ठ आसा, तो.

जे तरेन परमात्माले ऐश्वर्यानंद स्वरूपाचें वर्णन करचांतु आयलें ते तरेन हांगा तागेले अतुलनीय पराक्रमाचो उल्लेख करचांतु येता. *उदीर्ण* - श्रेष्ठ असले पराक्रमाविशय वेद-पुराणांतु अनेक कथानकं आसाचि. पुण परमात्मा दयाळू आशिल्यान तागेले पराक्रमान जीव-जगत्चो पराभव जायना. पराभव अशें दिसल्यारियी वास्तविक तो पराभव नासताना परमात्मालि अप्रत्यक्ष दया आनी करुणाची जावनुं आसता.

परमात्मालें लक्ष्य केन्नांयी आपण्याक आश्रित आशिले जीवात्मालें कल्याण करचांतु आसता. श्री मध्वाचार्य भागवत तात्पर्य निर्णयांतु म्हणताचि *"तस्योदरस्थजगतः सदमंदसांद्रस्वानंदतुष्टवपुसोऽपि रमारमस्य । भूत्यै निजाश्रितजनस्य हि सृज्यसृष्टावीक्ष बभूव परनामनिमेसकांते ॥"* - सर्व जग आपण्याले पोटांतु धारण केलिलो तो श्रीमन्नारायण, स्वतः निर्दोष, पूर्ण, व्याप्त आनी आनंदस्वरूप शरीराचो आसल्यारियी, आपण्यांतु आश्रित आशिले जीवसमूहांचे कल्याणाखातीर पर नांवांचे प्रलयकालांतु सृष्टीक योग्य असले वस्तु निर्माण करचि संकल्प करता.

### (६२९). *सर्वतश्चक्षुः* - कोणांली दृष्टी सर्व दिकान आसता, तो.

*"द्वा सुपर्णा सयुजा सखाया समानं वृक्षं परिषस्वजाते । तयोरन्यः पिप्पलं स्वाद्वत्यनश्नन्नन्यो अभिचाकशीति ॥"* - शरीर रूपी झाडावयर अन्योन्य स्नेह आशिले दोन पक्षि बशिले आसाचि. तांतूतलि एक पक्षि (जीव) ते

झाडावयले फळाची रुच घेता; दुसरि पक्षि (परमात्मा) आपूण स्वतः खायनासताना तें दुसरे पक्षी दिकान पळयत आसता.

संसारांतले दर एक व्यवहारावयर तागेलि नदर आसता. एक पुरुष दुसरे पुरुषाक फसवू शकता, पुण जो परम पुरुष दर एक पुरुषाले अंतःकरणांतु निवास करनुं आसा, ताका कोण फसवू शक्तालो ? जेन्ना दोन जीव एकांतांतु आसताचि तेन्ना तांगेले संगतींतु आसचो तिसरो परब्रह्म जावनुं आसा. *"यस् तिष्ठति चरति यश्च वञ्चति यो निलायं चरति यं प्रतङ्कम् । द्वौ संनिषद्य यन्मन्त्रयेते राजा तद् वेद वरुणस् तृतीयः ॥"* (अथर्ववेद). देकून श्री मध्वाचार्य स्पष्ट करताचि - *"यः प्रलयादिषु जीवेषु सुप्तेषु जागर्ति सः विष्णुः परं ब्रह्मेत्यर्थः ।"*

(६३०). *अनीशः* - जो सर्व प्रेरक शक्तिंचो स्वामी जावनुं आसा, तो.

श्री मध्वाचार्य गीताभाष्यांतु *अनादि* शब्दाचो अर्थ *"अनः चेष्टयिता आदिश्च सर्वस्य इति अनादिः"* म्हण्णुं करताचि. तोचि धात्वर्थ *अनीशः* शब्दाक लायल्यारि ते शब्दाचो अर्थ सर्व प्रेरक शक्तिंतु जो श्रेष्ठ आसा, तो म्हण्णुं जाता. तेन्नां गीतेंतलो श्लोकाचो *"यद्यद् विभूतिमत् सत्वं श्रीमदूर्जितमेव वा । तत्देवावगच्छ त्वं मम तेजोंऽसिंभवम् ॥"* (१०.४१) अर्थ स्पष्ट जाता. विश्वांतु अभिप्रेत जाल्लिले सर्व विभूति परमात्माक लागून प्रेरित जाताचि शिवाय स्वतःचे शक्तिक लागून न्हंय.

देकून परमात्मा *अनीशः* सर्वांलो प्रेरक जावनुं आसा. *"विद्युतः सूर्यादिप्रकाशान् आ समंतात् व्युदतत् प्रकाशयत् । यदादित्यगतं तेजो जगद् भासयतेऽखिलम् । यच्चंद्रमसि यच्चाग्नौ तत्तेजो विद्धि मामकम् ॥"* (कठोपनिषद्भाष्य).

(६३१). *शाश्वतस्थिरः* - जो निरंतर, स्थिर आनी अचल आसा, तो.

जें सनातन आसा, तें स्वभाविक रीतीन स्थिरची आसता. सृष्टींतु स्थित्यंयर जाता, परिवर्तन जाता, नाशची जाता. पुण भगवंत सनातन अनादि-अनंत आशिल्यान केवल तो एकमात्र शाश्वत स्वरूप आसा.

(६३३). *भूशयः* - जो धर्तरी आपण्याले शयन म्हण्णुं पसरायता, तो.
(६३४). भूषणः - जो ताका लागून शोभा वाढयता, तो.
(६३५). भूतिः - जो विभूति स्वरूप आसा, तो.

हे तीन नांव एक वर्गरूपान घेतल्यार तांचो यथार्थ सहज लक्षांतु येतालो. परमात्मान आपण्यालें विविध वैभव चेतन-अचेतन सृष्टींतु पसरायिल्यान विश्वाचि शोभा वाढता आनी ती जशें कांय परमात्म स्वरूप जालि.

(६३६). *विशोकः* - कोणाक केन्नांयी शोक आसना, तो.
(६३७). *शोकनाशनः* - कोण सर्वांलो शोक नाश करता, तो.

सर्व जनांले दुःख नाश करचे परमात्माक स्वतःचे असलें दुःख कसले आसतालें ? *"यस्मिन् (परमात्मानि) सर्वाणि भूतानि आत्मैवाभूत् विजानतः । तत्र को मोहः कः शोकः एकत्वमनुपश्यत ॥"* (ईषावास्योपनिषद). *"स यो ह वै तत्परमं ब्रह्म वेद ब्रह्मैव भवति नास्याब्रह्मवित् कुले भवति । तरति शोकं तरति पाप्मानं गुहाग्रंथिभ्यो विमुक्तोऽमृतो भवति ॥"* (मांडूक्योपनिषद).

*अर्चिष्मानर्चितः कुम्भो विशुद्धात्मा विशोधनः ।*
*अनिरुद्धोऽप्रतिरथः प्रद्युम्नोऽमितविक्रमः ॥ ६८ ॥*

(६३८). अर्चिष्मान् - जो तेजःपुंज आसा, तो.
(६३९). अर्चितः - जो सर्वांपसून पूजचांतु येता, तो.

भगवंत ज्योति स्वरुप आशिल्यान तो सर्वदा तेजःपुंज आसता. तागेले प्रकाशानचि सर्व संसाराक प्रकाश मेळता. देकून तो सर्वांपासून आनी सर्वांपयलें पूजचांतु येता. *"यस्मात् क्षरमतीतोऽहमक्षरादपि चोत्तमः । अतोऽस्मि लोके वेदे च प्रथितः पुरुषोत्तमः ॥"* (गीता.१५.१८). अर्जुन सांगता, *"स्थाने हृषीकेश तव प्रकीर्त्या जगत् प्रहृष्यत्यनुरज्यते च । रक्षांसि भीतानि दिशो द्रवन्ति सर्वे नमस्यन्ति च सिद्धसंघाः ॥ कस्माच्च ते न नमेरन् महात्मन् गरीयसे ब्रह्मणोऽप्यादिकर्त्रे । अनंत देवेश जगन्निवास त्वमक्षरं सदसत् तत्परं यत् ॥"* (गीता. ११.३१-३२).

(६४०). *कुम्भः* - **कुम्भ, कळसो.**

आध्यात्मिक परिभाशेंतु कुम्भ शब्दाक गूढार्थ आसा. कळसो एक धातून तयार जालिलें आयदन मात्र नासताना भितर-भायर आकाशतत्वान आवरण जालिल्याचें प्रतीक आसा. अंतःकरणांतले पर तत्वाक लागून शरीर ब्रह्मपुर आशिल्यान शरीरांतले ते परतत्वाक प्राणायामाचे मुखांतर पोळोवचे प्रक्रीयेक कुम्भक नांव आसा.

हे प्रक्रीयेचें महात्म्य गीता आनी भागवत पुराणांतु वर्णन केल्यां. *"सम आसन आसीनः समकायो यथासुखम् । हस्तावुत्सङ्ग आधाय स्वनासाग्रकृतेक्षणः ॥ प्राणस्य शोधयेन्मार्गं पूरकुम्भकरेचकैः । विपर्ययेणापि शनैरभ्यसेन्निर्जितेन्द्रियः ॥"*. साधारण उंचिवयरचे सुखासना वयर बसून शरीर सरळ, दोन्नी हात पायावयर एकत्रित, दृष्टी आपण्याले नाकाचे टोकावयर स्थिर करनुं प्राणायम केल्यार शरीरांतले सर्व नाडी स्वच्छ जाताचि. कुम्भकावस्थेंतु नियंत्रित जालिलो प्राणवायु परमात्मालें अमृत स्वरुपाचे दर्शन घडयता.

भक्ति, योग आनी तपः प्रभावान अंतरात्मांतले चिन्मय भगवंतालो साक्षात्कार घेवचो हव्यास मनुष्यान धरका म्हण्णुं छांदोग्योपनिषद सांगता. *"अथ यदिदमस्मिन् ब्रह्मपुरे दहरं पुण्डरीकं वेश्म । दहरोऽस्मिन्नंतराकाशः । तस्मिन् यदंतः तदन्वेष्टव्यं । तद्वाव विजिज्ञासितव्यं इति ।"*

(६४१). *विशुद्धात्मा* - जो शुद्ध आत्मतत्व जावनुं आसा, तो.

तो सर्वज्ञ आसून मनुष्याले काळजांतु प्रतिष्ठित आसता. *"यः सर्वज्ञः सर्वविद् यस्यैष महिमा भुवि । दिव्ये ब्रह्मपुरे ह्येष व्योम्न्यात्मा संप्रतिष्ठितः ॥ . . . हिरण्मये परे कोशे विरजं ब्रह्म निष्कलम् । तच्छुभ्रं ज्योतिषां ज्योतिः तद्यदात्मं विदो विदुः ॥"* (मुण्डकोपनिषद).
(६४२). *विशोधनः* - **जो साधकांक पवित्र आनी पावन करता, तो.**

परमात्मा स्वतः विशुद्धात्मा आशिल्यान तागेले सान्निध्यांतु आयिले सर्व जीव पवित्र आनी पावन जाताचि.

(६४३). *अनिरुद्धः* - जो स्वतंत्र आसून विश्वाचो निमायक आनी पालक आसा, तो.

चतुर्व्यूहांतले हें अस्वेरचें रुप श्रीमन्नारायणान सृष्टी नियमन आनी संरक्षण करचे खातीर घेतलें. हे स्वरुपांतु तो सर्व ठिकान पसरता आनी ताका प्रतिकार करचे कोणी आसनांचि. देकून तो अनिरुद्ध - *"प्रतिरुद्धो न भवतीति अनिरुद्धः ।"* परमात्मालि शक्ति अपरिमीत आशिल्यान ताका प्रतिरोध करचे कोणीयीं नांचि.

(६४४). *अप्रतिरथः* - **कोणांक प्रतिस्पर्धी ना, तो.**

तागेली शक्ति असामान्य आशिल्यान ताका प्रतिस्पर्धी आसचें शक्य ना. महाभारतांतलो गूढार्थ व्यासांनि *"नास्ति नारायणसमं न भूतं न भविष्यति । एतेन सत्यवाक्येन सर्वार्थान् साधयाम्यहम् ॥"* म्हण्णुं केलिलो आसा.

श्रीमन्नारायणाले चतुर्व्यूहांतले एक रूप जें सृष्टी निर्माण कार्य सांभाळ्ता.

(६४६). *अमितविक्रमः* - जो असामन्य पराक्रमशाली आसा, तो.

जे परमात्मंतु ब्रह्मतेज आनी क्षात्रतेज एकत्रित जाल्यां ते भगवंताले असीम सामर्थ्याचें वर्णन कोण करूं शक्ता ?

*कालनेमिनिहा वीरः शौरिः शूरजनेश्वरः ।*
*त्रिलोकात्मा त्रलोश्रेशः केशवः केशिहा हरिः ॥ ६९ ॥*

(६४७). ***कालनेमिनिहा*** -

कालाचि गति अविरत चल्त आसता. अणुपासून ब्रह्माण्डापर्यंत कालाचो व्याप पसरिलो आसता. प्रत्येक क्षणावयर तागेलें नियंत्रण आसता. श्वेताश्वतरोपनिषदांतु कालाचे भव्य आनी व्यापक स्वरूपाचें दर्शन दाखयल्यां. *"तमेकनेमिं त्रिवृतं षोडषान्तं शतार्धारं विंशतिप्रतायराभिः । अष्टकैः षड्भिर्विश्वरूपैकपाशं त्रिमार्गभेदं द्विनिमित्तैकमोहम् ॥"* परमात्माक कालचक्राचि उपमा दीवनुं मुण्डकोपनिषदांतु म्हळ्या *"अरा इव रथनाभौ संहता यत्र नाड्यः । स एषोंतश्चरते बहुधा जायमानः ॥"* *'अरा इव रथनाभौ'* - चक्राचे आरा जे तरेन मदले नाभीक जोडनुं आसताचि ते तरेन शरीरांतले सर्व नाड्यो परमात्माक जोडनुं आसताचि. *"हृदयस्थः सदा विष्णुर्बहुधा चैकधा भवन् । चरति स्वच्छयैवांतः सर्वजीवान् नियामन् ॥"* (श्री मध्वाचार्य - मुण्डकेपनिषद्भाष्य).

वयर नमूद केलिले श्वेताश्वतरोपनिषदेंतले मंत्र कालाचे ही *नेमि* (रथनाभी) तीन आवरणांनि (सत्व-रज-तम गुणांनि) सोळा सीमेन (पृथ्वी, आप, तेज, वायु, आनी आकाश हे पंचभूत, नाक, जीभ, दोळे, चामडी आनी कान हे पंच ज्ञानेन्द्रियं, हात, पाय, तोंड, जननेन्द्रिय आनी मलद्धार हे पंच कर्मेन्द्रियं आनी मन) पन्नास आरा (पांच विपर्यय - तमस, मोह, महामोह, तामिश्र आनी अंधतामिश्र ; सांख्य सूत्रांतले अठ्ठावीस अशक्ति ; सांख्य सूत्रांतले णव तुष्टि ; आनी आठ सिद्धि - अणिमा, महिमा, गरिमा, लघिमा, पाप्ति, प्राकाम्य, ईशत्व आनी वशिष्ट ; सर्व मेळनुं पन्नास आरा) बीस प्रत्यराभिः (प्रत्येक पांच-पांच महाभूतं, तन्मात्रा, ज्ञानेन्द्रियं, कर्मेन्द्रियं) अठ्ठेचाळीस स्थिळे (अष्टधा प्रकृति, आठ शारीरिक धातू, आठ सिद्धि, मनुष्याले आठ गुणं, आठ देव, आत्माचे आठ दैवी गुणं) विश्वरूपाचो पाश, तीन विशिश्ट साधनामार्ग (कर्म-ज्ञान-भक्ति) आनी पाप-पुण्याचे मोहाक लागून आवृत्त जाल्लिी आसा.

मुण्डकोपनिषदांतु सांगिल्ले तरेन हृदयांतु निवासित आशिलो परमात्माचि *कालनेमी* रूपान विश्वांतले सर्व घटकांवयर अधिपत्य गाजोवनुं हे विश्वचक्र फिरयत आसता. हे कालचक्राचो उल्लेख श्री कृष्ण गीतेंतु करता. *"ईश्वरः सर्वभूतानां हृद्देशोऽर्जुन तिष्ठति । भ्रामयन् सर्वभूतानि यन्त्रारूढानि मायया ॥"* (१८.६१).

(६४८). *वीरः* - शूर पुरुष.
(६४९). *शौरिः* - जो शूर कुळांतु जन्म घेता, तो.
(६५०). *शूरजनेश्वरः* - **शूरजनांलो स्वामी.**

श्रीमन्नारायणाले स्वाभाविक असले ऐश्वर्यगुणांतु वीर्य हें प्रामुख्यान दिसून येता. आपण्याले विभूतीं बद्दल उलयतानां तो *'सेनाननिमहं स्कन्दः', 'नराणां नराधिपः', 'मृगाणां मृगेन्द्रोऽहं', 'वैनतेयश्च पक्षिणाम्', 'रामः शस्त्रभृतामहम्', 'तेजतेजस्विनामहम्', 'जयोऽस्मि व्यवसायोऽस्मि', 'वृष्णीनां वासुदेवोऽस्मि' 'पाण्डवानां धनञ्जयः', 'दण्डो दमयितामस्मि'* हे तरेन अनेकानेक शूर जनांले उदाहरण दीवनुं भक्तांक आपण्याले शौर्याबद्दल आश्वासन दिलिलें आसा.

शूर पुरुष शूर कुळांतूचि जन्म घेता आनी शूर जनांलोचि आदर्श जावनुं आसता.

(६५१). *त्रिलोकात्मा* - तीन लोकांचो आत्मा जावनुं आसा, तो.
(६५२). *त्रिलोकेशः* - तीन लोकांचो स्वामि जावनुं आसा, तो.

असलो शूरवीर पुरुष तीन लोकांचो शूरवीरांलो आत्मस्वरूप आनी तांगेलो पुढारी जाले शिवाय कशें आसतालो.

(६५३). **केशवः - जो प्रकाशाचि किरणं पसरायता, तो.**

सूर्य किरणांक *केश* म्हण्णुं संज्ञा आसा. महाभारतांतु *"अंशवो ये प्रकाशन्ते मम ते केशसंज्ञिताः । सर्वज्ञाः केशवं तस्मान्मामहुर्द्विजसत्तमाः ॥"* म्हळ्यां. तेचि तरेन *"को ब्रह्मेति समाख्यात ईशोऽहं सर्वदेहिनाम् । आवां तवांशसम्भूतौ तस्मात्केशवनामवान् ॥"* म्हण्णुं हरिवंशांतु उल्लेख केल्लिलो आसा.

*केश* नांवान ओळखुवचांतु येवचिं किरणं सर्व साधारण आस नासताना, तीं ज्ञान प्रकाशित करचीं किरणं आसाचि. जे तरेन सूर्यालो प्रकाश झांकून दवरचाक जायना ते तरेन पुरुषालें ज्ञानची झांकून दवरचाक जायना.

(६५४). **केशिहा - जो अंधःकार नाश करचिं किरणं आसा, किंवा जो केशी नांवाचे अज्ञानरूपी असुराक नाश करता, तो.**

स्वंय प्रकाश प्रवेश आसा थंय अंधःकाराक आमंत्रण ना. वास्तविक प्रकाशाचि किरणं पसरले कीं अंधकारार्चे अस्तित्व आपोआप नाश जाता.

(६५५). *हरिः* - **: जो यज्ञांतलो हविभाग स्वीकारता, तो.**

श्री मध्वाचार्यांनि *हरिः* शब्दाचो *"हरिः सर्वयज्ञ भागहारित्वात्"* म्हण्णुं अर्थ केल्लिलो आसा. *"इडोपहूतं गेहेषु हरे भागं क्रतुष्वहं । वर्णो मे हरितः श्रेष्ठः तस्माद्धरिरिति समृतः ॥"* - सर्व यज्ञांतु हवि स्वीकारत आशिल्यान तो हरि जावनुं आसा. होम-यज्ञांतु इडा हे मंत्रान आपोवनुं दिवचे तागेलो भाग तो स्वीकारता. नीळे रंगांतु श्रेष्ठ नील वर्ण तागेलो आशिल्यान ताका हरि म्हणताचि.

***कामदेवः कामपालः कामी कान्तः कृतागमः ।***
***अनिर्देश्यवपुर्विष्णुर्वीरोऽनन्तो धनञ्जयः ॥ ७० ॥***

(६५६). **कामदेवः - जो सर्व कामना पूर्ण करचो देव आसा, तो.**

सृष्टीचें निर्माण श्रीमन्नारायणांले कामना-संकल्पाक लागून जालें. *"आत्मैवेदमग्र आसीत् एक एव । सोऽकामयत जाया मे स्यात् । अथ प्रजायेय । अथ वित्तं मे स्यात् । अथ कर्म कुर्वियेति । एतावान् वै कामः ।"* (बृहदारण्यकोपनिषद्) ही कल्पना पयलें ऋग्वेदांतु आनी मागीर छांदोग्यादि उपनिषदेंतु प्रस्तुत जाल्या. "सर्वकर्मा सर्वकामः सर्वगन्धः सर्वरसः सर्वमिदमभ्यात्तोऽवाक्यनादरः । एष म आत्मांऽतहृदये । एतद्ब्रह्म ॥" - सर्व शुभकर्म, सर्वसंकल्पं, सर्वगंध आनी सर्वरस रूपान सर्वांतु व्यापून आसचो, जो अर्थशून्य उत्रं किंवा स्वतःचे वडपणाशिवय आसा, तोचि मेगेले हृदयांतु आसचो परमात्मा.

आमगेले पूर्वजांनि धर्म, अर्थ, काम आनी मोक्ष हे क्रमान मनुष्याले पुरुषार्थांचि धायणा घालनुं दिल्लिली आसा. लौकिक साधनेंतु अर्थ आनी काम हे महत्वाचे पायर्यो आसाचि जे मोक्षाखातीर तेन्नांचि उपयोजक जाताचि जेन्नां

ते धर्मावयर अवलंबून आसताचि. देकून श्री कृष्णाले *"धर्माविरुद्धो भूतेषु कामोस्मि भरतर्षभ ।"* आनी वेदव्यासांलि *"ऊर्ध्वबाहुर्विरौम्येष न च कश्चिच्छृणोति मे । धर्मादर्थश्च कामश्च स किमर्थं न सेव्यते ॥"* घोषणेचो अर्थ समजता.

**(६५७). *कामपाल:* - जो कामनांचे पालन आनी रक्षण करता, तो.**

सर्व साधारण मनुष्य विषयाकर्षणान इन्द्रियासक्त जावनुं धर्मनियमांचे आचरण संसारांतु करना. देकून तागेलें कल्याण जायना. *"स्त्वविज्ञानवान् भवति अयुक्तेन मनसा सदा । तस्येन्द्रियाण्यवश्यानि दुष्टाश्वा इव सारथे ।"* - जो मनुष्य ज्ञान आनी विवेकाचो विचार करनुं आपण्याले इन्द्रियांवयर नियंत्रण दवर ना, तागेले मन सारथीले आधीन नाशिले घोड्यातरेन स्वैरास्वैर भटकता. जेन्नां भगवद्रूपी विवेक आनी विज्ञान आपण्यालो म्हण्णुं स्वीकारता तेन्नां ताका विष्णुलें परम पद प्राप्त जाता. *"विज्ञानसारथीर्यस्तु मन:प्रग्रहवान् नर: । सोऽध्वन: पारमाप्नोति तद्विष्णो: परमं पदं ॥"* (कठोपनिषद).

**(६५८). *कामी* - जो सर्व कामनांचो संकल्प करता, तो.**
**(६५९). *कान्त:* - सर्व कामनांचो उपभोग घेता, तो.**

*"अहं हि सर्वयज्ञानां भोक्ता च प्रभुरेव च ।"* (९.२४) देकून जो मनुष्य आपण्याले सर्वस्व परमात्माले चरणांतु समर्पण करता तो अनंत कालापर्यंत निर्मल आनंद प्राप्त करता. *"यत्करोषि यदश्नासि यज्जुहोषि ददासि यत् । यत्तपस्यसि कौन्तेय तत्कुरुष्व मदर्पणम् ॥ शुभाशुभफलैरेव मोक्ष्मसे कर्मबन्धनै: । संन्यासयोगयुक्तात्मा विमुक्तो मामुपैष्यसि ॥"* म्हण्णुं गीतेंतलें (९.२७-२८) आश्वासन आसा.

**(६६०). *कृतागम:* - जो श्रुति-स्मृतींक अभिप्रेत करता, तो.**

*"तस्मादृचो साम यजूंशि दीक्षा यज्ञाश्च सर्वे क्रतवो दक्षिणाश्च । संवत्सरश्च यजमानश्च लोका: सोमो यत्र पवते यत्र सूर्य: ॥"* (मुण्डकोपनिषद). परमात्मक लागून ऋग्वेद, यजुवेद, सामवेद, यज्ञ-याग, संवत्सर, लोक, सूर्य आनी चन्द्र अभिप्रेत जाताचि. वास्तविक भगवंताले कर्म म्हळ्यार तागेलि क्रिया; तप म्हळ्यार ज्ञान. *"भगवत: कर्म चेष्टा तपो ज्ञानं च परामृतब्रह्माख्य: पुरुषो भगवानेव ॥"* म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य सांगताचि.

**(६६१). *अनिर्देश्यवपु:* - कोणांलें अव्यक्त रूप व्यक्त स्वरूपान दिसता, तो.**

जो अव्यक्त आसा तोचि हे जगांतु अनेक तरेन व्यक्त जालिलो आसा. भागवत पुराणांतु उद्धवान श्री कृष्णाक प्रार्थना केलिली आसा, *"भक्तार्थं सगुणो जातो निराकारोऽपि चिन्मय: ॥ त्वद्वियोगेन ते भक्ता: कथं स्यास्यन्ति भूतले । निर्गुणोपासने कष्टमत: किञ्चिद् विचारय ॥"* - भक्तांले स्वातीर तूंवे प्रकृतीन निर्माण केलिले गुणांचो आधार घेतलो जरी मूळांतूचि तूं चिन्मय आत्मतत्व आसा.

**(६६२). *विष्णु:* - जो सर्व व्यापक मूलतत्व जावनुं आसा, तो.**

जी शक्ति मूळांतूचि एक आसा तीचि विविधतायेन सर्व जीव जगतांतु पसरून व्यापिली आसा.

**(६६३). *वीर:* - सर्व सृष्टी कोणाली आधीन आसा, तो.**
**(६६४). *अनन्त:* - कोणांले विस्ताराक अंत ना, तो.**

जे साधकाक विष्णूलें ज्ञान प्राप्त जाता ताका ते श्रेष्ठ शक्तिचें प्रतिबिम्ब जगांतले दर एक वस्तु आनी जीवांतु दिसून येता. *"यो मां पश्यति सर्वत्र सर्वं च मयि पश्यति । तस्याहं न प्रणश्यामि स च मे न प्रणश्यति ॥"* (गीता.६.३०). ते शक्तीक लागून भक्तांले रक्षण जाता. विश्वाचे कालचक्राक गति मेळता. ताका लागून परमात्माचो उल्लेख *सत्यं ज्ञानमनंतं ब्रह्म* म्हण्णुं जाता.

**(६६५). *धनञ्जय:* - जो सर्व धनाचो विजेता विजेता आसा, तो.**

भगवान आनी ऐश्वैर्य हे दोन्नियी समसमान शब्द आसाचि. *"ॐ भूर् भुवः स्वः तत् सवितुर् वरेण्यं भर्गो देवस्य धीमहि । धियो यो नः प्रचोदयात् ॥"* फांतोडेचे समयारि सवितारूपी विष्णुलें ध्यान केलें तर ते मनुष्याक ज्ञानैश्वर्य प्राप्त जावनुं तागेलि बुद्धि तीक्ष्ण, मन विशाल आनी काळीज परमात्मा विशय,श्रद्धावान् जाता. मनुष्यालें जीवन ज्ञानैश्वर्यान परिपूर्ण जाता. *"उद्वयं तमस्परि ज्योतिष्पश्यन्त उत्तरम् । देवं देवत्रा सूर्यम् अगन्म ज्योतिरुत्तमम् ॥"*

*ब्रह्मण्यो ब्रह्मकृद् ब्रह्मा ब्रह्म ब्रह्मविवर्धनः ।*
*ब्रह्मविद् ब्राह्मणो ब्रह्मी ब्रह्मज्ञो ब्राह्मणप्रियः ॥ ७१ ॥*

(६६६). *ब्रह्मण्यः* - जो व्यापक भावनेन परिपुर्ण आसा, तो.
(६६७). *ब्रह्मकृद्* - जो विश्वांतले जीवजगतांतु विशाल भावना जाग्रत करता, तो.
(६६८). *ब्रह्मा* - जो हे व्यापक भावनेक साकार स्वरूप प्रजापति चतुर्मुख ब्रह्माले रूपान दिता, तो.
(६६९). *ब्रह्म* - जो सर्व दिकान अभिप्रेत जाता, तो.
(६७०). *ब्रह्मविवर्धनः* - जो विश्वांतले प्रत्येक घटकांतलि व्यापक भावना वाढयता, तो.
(६७१). *ब्रह्मविद्* - जो सर्व व्यापक भावना जाणता, तो.
(६७२). *ब्राह्मणः* - जो सर्व व्यापक भावना जीवनांतु प्रगटायता, तो.
(६७३). *ब्रह्मी* - जो व्यापक भावनेंतु सदा तत्पर आसता, तो.
(६७४). *ब्रह्मज्ञः* - कोणाळ व्यापक भावनेचो यथार्थ ज्ञान आसा, तो.
(६७५). *ब्राह्मणप्रियः* - जो व्यापकज्ञान आशिले साधकांलो इश्ट जावनुं आसा, तो.

ब्रह्म हें जीवनाचे पयलें प्रथम तत्व जावनुं आसून तेंचि विश्वांतले दर एक घटकाक व्यापून प्रेरित करता. तें सर्व काळ आसा म्हण्णुं ताका *सत्य* - जें नित्य-नियमित आसा, *ऋत* - जें विश्वाचें नियमन करता, *धर्म* - जे संसाराचे आधार जावनुं आशिले सनातन नियमं जावनुं आसा म्हण्णुं संबोधन करताचि. हे तरेन *सत्य-ऋत-धर्म* हे ब्रह्मतत्वाचे अविष्कार जावनुं आसाचि. *"सत्यं ज्ञानमनन्तम् ब्रह्म ।"* (तैत्तिरीय उपनिषद).

ब्रह्म परिपूर्ण आशिल्यान तें सर्वांचे निर्माण-पोषण-नियमन आनी निर्दालनबी करता, सर्वालें वृद्धीचें कार्य-कारण आनी तांगेले कर्तुताचे साक्षि आसा. *"तपो वेदाश्च विप्राश्च ज्ञानं च ब्रह्मसंज्ञितम् ॥"*

श्री मध्वाचार्य ब्रह्म शब्दाचि व्याख्या *"ब्रह्म परिपूर्ण, बृहन्ति बृहयन्ति च, बृह, बृहि, वृद्धौ इति पठंति ।"* म्हण्णुं करताचि. ब्रह्म विविध रूपान अविष्कार जालिल्यान तो *"विविधं असीदिः विभुः ।"*, सर्वावयर अनेक तरेन प्रभाव घालत आशिल्यान तो *"स ह्येव प्राभवत् विविधोभवत् ।"*

हे तरेन वयर नमूद जालिलीं विंग-विंगड नांवं मूल धातूवयल्यान संदर्भानुसार विस्तारित जालिल्यांचि. *"प्रत्यस्तमितभेदं यत् सत्तामात्रमगोचरम् । वचसामात्मसंवेद्य तज्ज्ञानं ब्रह्मसंज्ञितम् ॥"* - जे ज्ञान सर्व भेदांचे समाधान करता, जें सत्यस्वरूप आसून शब्दांचे पेलतडेन आसा आनी जें संवेदनेन मात्र जाणचांतु येता तें ब्रह्म आसा म्हण्णुं विष्णु पुराणांतले वचन आसा.

महाक्रमो महाकर्मा महातेजा महोरगः ।
महक्रतुर्महायज्वा महायज्ञो महाहविः ॥ ७२ ॥

*(६७६). महाक्रमः - कोणें महान् कार्याचि सुरवात केलि, तो.*

श्री विष्णुलीं सर्व नांवं तागेले विश्वनिर्माण, नियमन आनी संरक्षणेचे अनुसंधाननान प्रतीक जावनुं आसाचि. व्यापनशील विष्णूचि सर्व विश्वांतु अभिप्रेत जालिल्यान तागेलें अस्तित्व स्वंय सुरु जाता आनी स्वंय सोंपता हें सांगचे कठीण आसा. *"महान्तः क्रमाः पादविक्षेपा अस्येति महाक्रमाः । शं नो विष्णुरुरुक्रमः ।"* तागेलें सर्व कार्य यज्ञस्वरूप

आशिल्यान *"ब्रह्मार्पणं ब्रह्म हविर्ब्रह्माग्नौ ब्रह्मणा हुतम् । ब्रह्मैव तेन गन्तव्यं ब्रह्मकर्मसमाधिना ॥" (४.२४)* तो सर्व रीतीन ब्रह्ममय आसा.

ऋग्वेदांतले पुरुषसूक्तांतु परमात्माले व्यापक स्वरूप यज्ञाचें लक्ष्य, यज्ञाचि क्रिया, यज्ञांतलि हवि आनी यज्ञाचि समाप्ति म्हण्णुं दाखोवचांतु आयल्या. *"यज्ञेन यज्ञमयजन्त देवास्तानि धर्माणि प्रथमान्यासन् । ते ह नाकं महिमानः सचन्त यत्र पूर्वे साध्याः सन्ति देवाः ॥" (१०.९०.१६).*

जेन्नां चारी वर्णांचे जनांनि आप-आपण्यालि बुद्धि-शक्ति-संपत्ति आनी सेवा परमात्माक हविस्स्यान अर्पण करताचि तेन्नांचि श्री विष्णुलें नामस्मरणाचें यथार्थ जाता म्हणयेत.

***(६७७). महाकर्मः - कोणांले कार्य महान् आसा, तो.***

***(६७८). महातेजः - कोणांले तेज महान् आसा, तो.***

पुरुषयज्ञाक लागून तागेले तेज सर्व विश्वांतु - जीवजगतांतु - पसरलें. *"येन सूर्यस्तपति तेजसेद्धः ।"* (तैत्तिरीयोपनिषद्). आनी ते तेजाचे अभिव्यक्त स्वरूप कणकणांतु दिसून येता.

***(६७९). महोरगः - कोणांली गती चपल आनी सुटसुटीत जालि, तो.***

परमात्मा स्वतः चपल आनी सुटसुटीत आशिल्यान तागेले प्रभावासकयल आयिले सर्व चपल आनी प्रगतिशील आसताचि.

***(६८०). महाक्रतुः - कोणांले ज्ञान महान् आसा, तो.***

तागेले असामान्य ज्ञानैश्वर्याचे संकीर्तन करचांतु येता. *"वषट् ते विष्णवास आ कृणोमि तन्मे जुषस्व शिपिविष्ट हव्यम् । वर्धन्तु त्वा सुष्टुतयो गिरो मे यूयं पात स्वस्तिभिः सदा नः ॥" (ऋग्वेद.७.१००.७)* - हे विष्णो तुगेले मुखारि वषट् म्हण्णुं आमी अग्निंतु आहुति दिताचि. किरणांनि प्रकाश जावचे विष्णो तूं आमगेलि आहुति स्वीकार कर. स्तोत्र पठन करचि आमगेलि वाणि तुगेले माहात्म्य प्रकट करूं. *"तमु स्तोतारः पूर्व्यं यथा विद ऋतस्य गर्भं जनुषा पिपर्तन । आस्य जानन्तो नाम चिद्विवक्तन महस्ते विष्णो सुमतिं भजामहे ॥" (ऋग्वेद.१.१५६.३).*

***(६८१). महायज्वा - जो यज्ञांतु श्रेष्ठ प्रवर्तक आसता, तो.***

पुरुषयज्ञांतलो प्रवर्तक साक्षात् श्रीमन्नारायणचि आसून यज्ञाचे भायरचे आडंबरापेक्षां यज्ञसंस्थेंतले अनासक्तिचें आनी लोककल्याणाखातीर त्यागाचें स्वरूप खरें आसून तें तत्व आचरणेंतु हाडचें करचेंचि धर्माचे पालन म्हण्णुं गीतेंतु स्पश्ट केलें. मनुष्यान आपण्याले स्वभावजन्य कर्मांविषय आलस्य आसचें न्हंय. पुण आपण्यान करचें कर्म आपूण स्वतंत्रतायेन करत नासताना परमात्माले प्रेरणेक लागून आपण्याले हातांतल्यान जायत आसता, हें ज्ञान ताका आसचाक जाय. श्री मध्वाचार्य सांगताचि *"नाहं कर्ता हरिः कर्ता तत्पूजा कर्म चाखिलम् । तथापि मत्कृता पूजा तत्प्रसादेन नान्यथा ॥ तद्भक्तिः तत्फलं मह्यं तत्प्रसादः पुनः पुनः । कर्मन्यासो हरावेवं विष्णोः तृप्तिकरः सदा ॥" (गीता तात्पर्य).*

***(६८२). महायज्ञः - कोण स्वतः महान् यज्ञस्वरूप आसा, तो.***

*"ज्ञो नाम भगवान् विष्णुः तं यात्युद्देश एष यः । स यज्ञ इति संप्रोक्तां विहिते कर्मति स्थितः ।"* म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य गीता तात्पर्यांतु यज्ञ आनी विष्णुलो संबंध दाखयताचि. ज्ञ म्हळ्यार सर्वोत्तम विष्णु आनी ताका उद्देशून केलिलें कर्म म्हळ्यार यज्ञ.

***(६८३). महाहविः - कोण यज्ञांतु स्वतःक महान् हविस्स्यान अर्पण केलें, तो.***

जेन्नां देवांनि यज्ञ केलो तेन्नां ते पुरुषाकचि हविरुप्यान अर्पण करचें पडले कारण तेन्नां ताजे शिवाय विंगड कांयी नाशिलें. भागवत पुराणांतु चतुर्मुख ब्रह्मदेव म्हणता *"यदास्य नाभ्यान्नलिनाद् अहमासं महात्मनः । नाविदं यज्ञसम्भारान् पुरुषावयवाद् ऋते ॥ . . . इति सम्भृतसम्भारः पुरुषावयवैरहम् ॥ तमेव पुरुषं यज्ञं तेनैवायजमीश्वरम् ॥"* - मेगेलो जन्म जेन्नां ते परम पुरुषाले नाभि कमळांतल्यान जालो तेन्नां यज्ञ करचाक ते पुरुषाले अवयवाशिवाय माका विंगड पदार्थ मेळेना, देकून यज्ञ सामग्री तागेले अवयवांतल्यानचि एकडे करनुं तागेलीचि पूजा केलि.

*स्तव्यः स्तवप्रियः स्तोत्रं स्तुतिः स्तोता रणप्रियः ।*
*पूर्णः पूरयिता पुण्यः पुण्यकीर्तिरनामयः ॥ ७३ ॥*

**(६८४). *स्तव्यः* - जो कोण स्तुति करचांतु योग्य आसा, तो.**

परमात्मालि स्तुति म्हळ्यार राजाले आशिले- नाशिले प्रतापाचि प्रशंसा नासताना तागेले दर एक नांवांचे श्रवण, कीर्तन, स्मरण, मनन आनी ध्यान करनुं ते ते नांवांचो यथार्थ समजचो आसा. *"माहात्म्यज्ञानपूर्वस्तु सुदृढः सर्वतोधिकः । स्नेहो भक्तिरिति प्रोक्तस्तया मुक्तिर्न चान्यथा ॥"* (महाभारत तात्पर्य निर्णय). श्री विष्णुले माहात्म्य जाणचें हाकाचि भक्ति म्हणताचि. स्तुति केलिल्यान भक्ति संभवता आनी भक्ति हीचि वास्तवतेंतु मुक्ति आसा. देकून भक्ति हें साधन नासताना साधनेचें लक्ष्य असा म्हणचांतु येता. भक्तिस्वातीरचि भक्ति करचि आसता. कारण भक्ति भगवंतावयरचें प्रेम दर्शायता आनी प्रेम करचाक कारण आसना.

**(६८५). *स्तवप्रियः* - कोणाक आपण्याले साधकान केलिली स्तुति प्रिय आसा, तो.**

भगवान अहेतुक आसता. ताका भक्तांकडचान कांयी अपेक्षा नासता. तागेली जो कोण अनन्य भावनेन प्रेम करता तोचि भगवंताक आवडता. *"अनपेक्षः शुचिर्दक्षः उदासीनो गतव्ययः । सर्वारम्भपरित्यागी यो मद्भक्तः मे प्रियः ॥ . . . ये तु धर्म्यामृतमिदं यथोक्तं पर्युपासते । श्रद्दधाना मत्परमा भक्तास्तेऽतीव मे प्रियाः ॥"* (गीता.१२.१६ आनी २०) *"विहाय कामान्यः सर्वान्पुमांश्चरति निस्पृहः । निर्ममो निरहङ्कारः स शान्तिमधिगच्छति ॥"* (गीता. २.७१)

**(६८६). *स्तोत्रम्* - कोणांलि स्तुति तागेलें स्वरूपचि आसा, तो.**

जी साधना भक्ताक जीव-परमात्मांतलो निज स्वरूप दाखयता तीचि स्तोत्र रूपान अभिप्रेत जाता. ताका लागून परमात्माले प्रत्येक नांव तारकमंत्र आसा.

**(६८७). *स्तुतिः* - कोण स्तवन करचे क्रियेंतु सहभाग आसअ, तो.**
**(६८८). *स्तोता* - कोणांले स्तवन करचांत येता, तो.**

जेन्नां जीवात्मा आनी परमात्मालो निज संबंध जाणचांतु येता तेन्नां स्तोत्र पठन करचो भक्त आनी ताणें करचें स्तोत्र एकजीव जाताचि. स्तोत्रांतु पठन जावचे सांकेतिक शब्दांक आध्यात्मिक शक्ति प्राप्त जाता.

**(६८९). रणप्रियः - कोणांक संघर्ष प्रिय आसा, तो.**

संसार म्हळ्यार सत्य-असत्यांचो, ऋत-अनृतांचो, धर्म-अधर्मांचो, नित्य-अनित्यांचो निरंतर चलचो संघर्ष आसा. *"श्रेयश्च प्रेयश्च मनुष्यमेतस्तौ संपरीत्य विविनक्ति धीरः । श्रेयो धीरोऽभिप्रेयसो वृणीते प्रेयो मंदो योगक्षेमान् वृणीते ॥"* म्हणुं कठोपनिषदांतु सांगल्यां. जन्माक आयिलो जो मनुष्य संसारांतले दुष्कृत्तींचो नाश करनुं सुकृत्तींचे स्वीकार करता तोचि परमात्माले प्रीतीक पात्र आसता. *"परित्राणाय साधूनां विनाशाय च दुष्कृताम् । धर्मसंस्थापनार्थाय संभवामि युगे युगे ॥ "* मनुष्याले अंतरात्मांतलें अज्ञान निर्मूलन जावनुं जेन्नां थंय ज्ञानाचो प्रकाश पसरता तेन्नां परमात्माले आनंदाक सीमा आसना.

**(६९०). *पूर्णः* - कोण सर्व तरेन परिपूर्ण आसा, तो.**

परमात्म स्वंयचेयी स्वरूपांतु अपूर्ण आसना. वास्तविक परमात्मा नांवाचि परिभाशा पूर्ण म्हण्णुं करचांतु येता. *"ॐ पूर्णमदः पूर्णमिदं पूर्णात् पूर्णमुदच्यते । पूर्णस्य पूर्णमादाय पूर्णमेवाशिष्यते ॥"*. श्री मध्वाचार्याले मतान *"अवतारा महाविष्णोः सर्वे पूर्णाः प्रकीर्तिताः । पूर्णं च तत् परं रूपं पूर्णात् पूर्णाः हमुद्गताः । परावरत्वं तेषां तु व्यक्तिमात्रविशेषतः । न देशकालसामर्थ्यैः पारावर्यं कथंचन । पूर्वरूपस्य पूर्णस्य पूर्णं यदवतारगम् । रूपं तदात्मनाय्यदाय फुर्णमेवावतिष्ठते । लौकिक व्यवहारो यो भूधारकपणादिकः । तददृष्टिं विना नान्यो लयः कृष्णादिनां क्वचित् ॥"* - महाविष्णुले सर्व अवतार पूर्ण आसून ते रूपांतल्यानचि तागेले अवतार पूर्णरूपान अभिव्यक्त जाताचि. तागेले मूल आनी अवतारांतु भेद आसना. लोकक्कल्याण आनी देश कालानुसार व्यवहारांतु आदर्श घालचे स्रातीर कृष्णादि अवतार धारण करचांतु येताचि. (बृहदारण्यकोपनिषद्भाष्य).

**(६९१). *पूरयिता* - जो भक्तांले सर्व कामना पूर्ण करता, तो.**
**(६९२). *पुण्यः* - जो भक्तांले असमर्थता पूर्ण करता, तो.**

तो स्वतः पूर्णकाम आशिल्यान तागेले सहवासांतु येव्चे सर्व जनाले कामना पूर्ण आनी संकल्प पुण्य जाताचि. जे तरेन सुवासिक फुलांचे मळ्ळांतले मनुष्याक फुलांचो परमळ स्पर्श केले शिवाय उरना किंवा मधुरसाचो स्वाद घेव्चे मधमाशीक मधुरसाचो स्पर्ष जाले शिवाय उरना तेचि तरेन कृष्णाले सहवासांतु आयिले मनुष्याक कर्माचि सफलता आनी संकल्पांचे पुण्यायी मेळे शिवाय उरना.

**(६९३). *पुण्यकीर्तिः* - कोणांलि कीर्त पावन करता, तो.**
(६९४). *अनामयः* - कोण स्वतः विकाररहित आसा, तो.

परमात्मालि कीर्तीक केन्नांयी कलंक किंवा तागेले व्यक्तित्वाक विकार येनांचि. कारण तो नित्य शुद्ध आसता.

***मनोजवस्तीर्थकरो वसुरेता वसुप्रदः ।***
***वसुप्रदो वासुदेवो वसुर्मना हविः ॥ ७४ ॥***

**(६९५). *मनोजवः* - कोण मनातरेन वेगवान आसा, तो.**

*"तदेजति तन्नेजति तद्दूरे तद्वंतिके । तदंतरस्य सर्वस्य तदु सर्वस्य बाह्यतः ।"* (ईशावास्योपनिषद) - ताका सर्व भियेताचि, तो कोणांकयी भीयेना. तो लागीं आसा, तो दूर आसा. तो भितर आसा, तो भयर आसा. वास्तविक तो सर्वांतर्यामी आसा.

(६९६). *तीर्थकरः* - कोण सर्व नदींतु आपण्यालें पावनकारी सत्व समावेश करता, तो.
**(६९७). *वसुरेताः* - कोणांले वीर्य ऐश्वर्य संपन्न आसा, तो.**

*"देवः पूर्वमापः सृष्ट्वा तास् वीर्यमवासृजत । तदण्डमभवद्धैमं ब्रह्मणः कारणं परम् ॥"* - भगवंतान पयलें आप - उदकाचें निर्माण करनुं तातूंत ताणें आपल्यालें वीर्य-तेज दवरलें. तेंचि नंतर हिरण्यगर्भ - ब्रह्मतेजाचे मूल स्थान जालें.

(६९८). वसुप्रदः - जो धन प्रदान करता, तो.
(६९९) वसुप्रदः - जो ऐश्वर्य प्रदान करता, तो.

(७००). वासुदेवः - जो सर्वांले अंतरात्मांतु निवास करनु आसा, तो.

परामात्मा साक्षात् भगवान आशिल्यान तो भक्तांक धन आनी ऐश्वर्य प्रदान करता. *"भग प्रणेतर्भग सत्यराधो भगेमां धियमुदवा ददन्नः ।"* (७.४१.३) म्हण्णुं वैदिक ऋषी प्रार्थना करता. सायणाचार्यांले हे मंत्रावरयर सुंदर भाष्य आसा - *"हे भग, देव त्वं प्रणेता - प्रकर्षेण नेता असि । हे भग, त्वं सत्यराधः - सत्यधनः असि । हे भग, त्वं नः - अस्मभ्यम्, ददत् - कामान् प्रयच्छन्, इमा - अस्मदीयाम्, धीयं -स्तुतीम्, उदव-उद्रक्ष-फलयुक्ताः कुरु ।"*

*"अच्छादायति सर्वं वासयति वसति च सर्वत्र इति वासुः । देवशब्दार्थः उक्तः पुरस्तात् । . . छादयामि जगद्विशं भूत्वा सूर्य इवांशुभिः । सर्वभूताधिवासश्च वासुदेवस्ततोस्म्यहं ॥"* - सर्वकांय आसा ताजें आवरण केलिल्यान, जें सर्वकांय आसा तांतूत निवास केलिल्यान तो *वासु*. आनी *दिव्य* आशिल्यान देव हो शब्द ताका जोडिली आसा. हे तरेन श्री शंकराचार्यांनि वासुदेव शब्दाचें स्पष्टीकरण केलिलें आसा.

(७०१). वसुः - जो स्वतः सर्वैश्वर्यसंपन्न आसा, तो.

सर्वांतु आपण्याले तेज आनी ऐश्वर्यान तो प्रेरित करता. *"यद्यद्विभूतिमत्सत्वं श्रीमदूर्जितमेव वा तत्तदेवावगच्छ त्वं मम तेजोंऽशसम्भवम् ॥"* (गीता. १०.४१).

(७०२). *वसुमनाः* - जो सर्वांले मनांतु निवास करनुं तांगेले कार्यांतु तांका प्रेरित करता, तो.

*"योऽयं सर्वेषु जीवेषु नियामकतया स्थितः ॥"* सर्व जीवांतु परमात्माचि स्वतंत्ररूपान आसून तागेले प्रेरणेक लागूनचि मनुष्यालि सर्व कार्य संपुष्टांतु येताचि.

(७०३). *हविः* - जो यज्ञांतलो हुतद्रव्य जावनुं आसा, तो.

विश्वांतलें सर्वकांय पमात्माचि आशिल्यान तोचि *हवि* दिता आनी तोचि *हवि* घेता. *"ब्रह्मार्पणं ब्रह्म हविः ।"* म्हण्णुं गीतेंतु (४.२४) सांगल्यां.

*सद्गतिः सत्कृतिः सत्ता सद्भूतिः सत्परायणः ।*
*शूरसेनो यदुश्रेष्ठः सन्निवासः सुयामुनः ॥ ७५ ॥*

(७०४). *सद्गतिः* - जो सत्यदिकान व्हरचि वाट आसा, तो.

परमात्मा सत्यस्वरूप आशिल्यान तो लक्ष्य तेचि तरेन मार्गबी आसा. दोन बिंदू मदलें लागीचें अंतरचि त्याक्षाचि सरळ वाट आसता. *"सत्येन पन्था विततो देवयानः येनाक्रमन्ति ऋषयो हि आप्तकामा यत्र तत् सत्यस्य परमं निधानम् ॥"* - सत्य नांवान अस्तित्वांतु आसचे देवाक सदा जय आसता, ताजे विपरीत कांयी आसना. सत्यरूपी परमात्माले मार्ग देवयान आसून आत्मसंकल्प केलिले ऋषी तेंचि मार्गावयल्यान सत्याचे परम धाम पावतात. *"सत्येन लभ्यस्तपसा ह्येष आत्मा सम्यग् ज्ञानेन ब्रह्मचर्येण नित्यम् । अंतःशरीरे ज्योतिर्मयो हि शुभ्रो यं पश्यंति यतयः क्षीणदोषाः ॥"* - ज्योतिस्वरूप पवित्र परमात्माक योगिजन तप, ज्ञान आनी अविरत ब्रह्माचरणेन दोश नाश करनुं आपण्याले अंतःकरणांतु परमगति पळयताचि.

(७०५). *सत्कृतिः* - कोणांले कार्य शुभस्वरूप आसा, तो.

साधकान भगवद्साधनेचें पान उचलेंकीं परमात्मालि कृपादृष्टीन तागेले सर्व कार्य शुभ संकल्पयुक्त जाताचि.

**(७०६). *सत्ता* - जो सर्वांले अस्तित्व जावनुं आसा, तो.**

सृष्टीचे निर्माण आनी प्रेरणा परमात्माक लागूनचि आशिल्यान वास्तविक सृष्टीवयरचे सर्व अस्तित्व तागेलेंचि आसता. श्री मध्वाचार्य महाभारत तात्पर्य निर्णयांतु सांगताचि *"सर्वोत्तमो हरिरिदं तु तदाज्ञयैव चेतुं क्षमं स तु हरिः परम स्वतंत्रः । पूर्णाव्ययागणितनित्यगुणार्णवोऽसावि इत्येव वेदवचनानि परोक्षयश्च ॥"* - श्री हरि सवोत्तम आसून हें सर्व जगांतलें ज्ञान तागेले अज्ञानुसार आसा. उपनिषद सांगताचि कीं परमात्मा स्वतंत्र, सर्वापेक्षा श्रेष्ठ, ह्रासरहित, अनंत आनी नित्य असले गुणांचो सागर जावनुं आशिल्यान तोचि *"एकमेवाद्वितीयम् ।" (छांदोग्योपनिषद)* - एकमात्र आनी अद्वितीय आसा.

**(७०७). *सद्भूतिः* - जो स्वतः ब्राह्मीस्थिति जावनुं आसा, तो.**

श्री मध्वाचार्य गीतातात्पर्य निर्णयांतु सांगताचि *"एकं रूपं हरेर्नित्यमचिंत्यैश्वर्ययोगतः । बहुसंख्यागोचरं च शवशेषादेव केवलम् ॥"* - श्री विष्णुले अचिंत्य आनी अद्भुत सामर्थ्याक लागून तागेलें रूप एक किंवा अनेक अशें दिसूयेत. पुण विश्वांतु प्रतीत जावचे अनेकरूप हें केवल व्यवहारिक दृष्टीक लागून आसून परमात्मा केवल एकमात्र आसा. *"द्विविधं वैभवं रूपं प्रत्यक्षं तिरोहितम् । कपिलव्यासकृष्णादयं प्रत्यक्षं वैभवं स्मृतम् । भिन्नं ब्रह्मादिजीवेभ्यो जडेभ्यश्चापि तद्गतम् । स्वजात्याधिक्यदं तेषां तत्तिरोहितवैभवम् ॥"* (श्री मध्वाचचार्य - गीतातात्पर्य). भगवंताले रूप एकचि आसून तागेलें विशिष्ट गुणं अभिप्रेत करचे अनेक रूपांक तिरोहित रूप म्हणताचि.

**(७०८). *सत्यपरायणः* - जो सत्यस्वरूपाचे अंतिम लक्ष्य जावनुं आसा, तो.**

मनुष्याले आध्यात्मिक साधनेचें अंतिम लक्ष्य परमात्माले सान्निध्य प्राप्त करचें आसता. तें त्रिगुणात्मक सृष्टीचे आनी विष्णु सर्वोत्तमज्ञान मेळ्यल्यानचि साध्य जाता. कारण भागवत पुराणांतु स्पष्ट केलिले तरेन *"सत्वं रजस्तम इति प्रकृतेगुणास्तैयुक्तः परः पुरुष एक इहास्य धत्ते । स्थित्यादये हरिविरिञ्चिहरेति संज्ञाः श्रेयांसि तत्र खलु सत्वतनोर्गुणां स्युः ।"* सत्व-रज-तम हे तीन गुणं विष्णु, चतुर्मुख ब्रह्म आनी हर रूपान कार्यशील जायत आसल्यारियी प्रामुख्यान विष्णुलीचि पूजा जाता. *"पार्थिवाद्दारुणो धूमस्तस्मादग्निस्त्रयोमयः । तमसस्तु रजस्तस्मात्सत्वं यद्ब्रह्मदर्शनम् ॥ भेजिरे मुनयोऽथाग्रे भगवन्तमधोक्षजम् । सत्वं विशुद्धं क्षेमाय कल्पन्ते येऽनु तामिह ॥"* - जे तरेन धुंवर जड गुणांचे लाकडां पेक्षां श्रेष्ठ आसता, ते तरेन तामस गुणांपेक्षां राजस श्रेष्ठ आसता; जे तरेन धुंवरापेक्षां यज्ञांतलो अग्नि श्रेष्ठ आसता, ते तरेन तामस आनी राजस गुणांपेक्षां सत्वगुण श्रेष्ठ आसता. देकून मनुष्यान सत्व गुणांक लागून आपण्यालें श्रेय वाढोवका. *"मुमुक्षवो घोररूपान् हित्वा भूतपतिनथ । नारायणकलाः शान्ता भजन्ति ह्यनसूयवः ॥"* पूर्वकाळांतु मोक्षाख्यातीर मुमुक्षु विष्णुलीचि पूजा करताले आनी आतांसुद्धां तोचि मार्ग चलताचि.

**(७०९). *शूरसेनः* - जो शूर सैनिक जावनुं आसा, तो.**

भारतीय संस्कृतींतु शौर्याक विशिष्ट महत्व दिलिलें आसा. भगवान् सात्विक शक्तिचे स्वरूप आशिल्यान तो शौर्याचें प्रतीक जावनुं आसा. साधूंलें रक्षण आनी दुष्टांलें निर्दालन जावचें तें परमात्माले शक्तीक लागून आसा. धनुर्धारी राम, सुदर्शनधारी कृष्ण, अष्टायुधधारी दुर्गा हे सर्व देवत शौर्याचे प्रतीक जावनुं आसाचि. *"सशक्तिकं आवाहयामि"* - सर्व शक्तिसयत देवान आपण्याले जीवनांतु येवका म्हण्णुं साधक प्रार्थना करता.

**(७१०). *यदुश्रेष्ठ :* - जो यादव कुलांतलो श्रेष्ठ श्री कृष्ण आसा, तो.**

श्रीमन्नारायणालो एक पूर्णावतार म्हण्णुं श्री कृष्णालो उल्लेख जाता. *"स आदिकर्ता नारायणाख्यः विष्णुः भौमस्य ब्रह्मणः ब्राह्मणस्य रक्षणार्थं देवक्यां वसुदेवात् अंशेन कृष्णः किल संबूभव ।"* म्हण्णुं श्री शंकराचार्यांनि स्पश्टीकरण केल्लें आसा.

भागवत पुराणांतु श्रीकृष्ण जन्म सूक्ष्म आनी सुंदर कल्पनांनि वर्णन केल्लिो आसा. *"निशिथे तमउद्भवे [illegible]यमाने जनार्दने । देवक्यां देवरूपिण्यां विष्णुः सर्वगुहाशयः । आविरासीद् यथा प्राच्यां दिशीन्दुरिवपुष्कलः ॥"* - [illegible]सारांतु मध्यरात्रिचो अंधःकार पसरता तेन्नां सर्वालो अंतर्यामि जावनुं आशिलो श्री विष्णु, जे तरेन चन्द्र पूर्वदिशेन उदय [illegible] ते तरेन देवकीले गर्भांतु अद्भुत शक्ति सयत जन्म घेता. *"तमद्भुतं बालकमम्बुजेक्षणं चतुर्भुजं शङ्खगदार्युदायुधम् । [illegible]वत्सलक्ष्मं गलशोभिकौस्तुभं पीताम्बरं सान्द्रपयोदसौभगम् ॥ महार्हवैदूर्यकिरीटकुण्डलत्विषा परिष्वक्तसहस्रकुन्तलम् । [illegible]काञ्च्यङ्गदकङ्कणादिभिर्विरोचमानं वसुदेव ऐक्षत ॥"* - कमलातरेन निर्मल दोळे, हातांतु शंङ्खगदादि आयुधं, [illegible]वयर श्रीवत्स, गळ्यांतु कौस्तुभ, कुरळे केसांवयर झगझगचे किरीट, कानांतु कुण्डलं, बाजूबंद, कमरबंद आनी [illegible]वर धारण केल्लिले अद्भुत रूपासयत ते असामान्य चेरडान जन्म घेतिल्यान यदुवंश निजान सार्थक जालो.

**[illegible]). *सन्निवासः* - जो सर्वांतु सदा सत्याचें अस्तित्व आसता, तो.**

साधकाले आध्यात्मिक प्रगतींतु परमात्मालें दर्शन पयलें अनेक सगुण रूपान, नंतर एकचि सगुण रूपान, [illegible] एकचि विश्वव्यापी, विश्वात्मक आनी सर्वांक आधारभूत आशिले श्रीमन्नारायण रूपान सत्याचो अविष्कार [illegible]धिभौतिक, आधिदैविक आनी आध्यात्मिक पातळीवयर जाता.

**[illegible]). *सुयामुनः* - जो यमुनातीरावयर निवास करचो श्री कृष्ण आसा, तो.**

पुराणांतले कथानुसार यमुना नदींतु कलिया नांवांचो अज्ञानरूपी असुर विवास करनुं गोकुलांतले जनांक त्रास [illegible]. श्री कृष्णान हे कालीयाक पराजित करनुं गोकुलांतले जनांलो उद्धार केलो. गोकुल हो श्रेवल एक भौगोलिक प्रदेश [illegible] माननासताना मनुष्यालें हृदयांतलो आकाश जावनुं आसा. अंतःकरणांतु षड्विकारांचे थैमान घालनुं जनांले [illegible]विनांतु कोलाहल निर्माण करचे तृणावर्त, वत्सासुर, बकासुर, अघासुर, कालीयादि तामसी वृत्तींक समूळ हुमटांवनुं [illegible] थंय श्री कृष्णान सात्विक ज्योत पेटयलि. जे प्रदेशांतु सात्विक स्वरूपाचो भगवंत निवास करता थंय राजस किंवा [illegible] गुणांक आस्पाव नासता.

*भूतावासो वासुदेवः सर्वासुनिलयोऽनलः ।*
*दर्पहा दर्पदो दृप्तो दुर्धरोऽथापराजितः ॥ ७६ ।*

**[illegible]). *भूतावासः*** - जो सर्व भूतजातींतु निवास करनुं आसचो परब्रह्म आसा, तो.

*"अणोरणीयान् महतो महयान् आत्माऽस्य जंतोर्निहितो गुहायां । तमक्रतुः पश्यति वीतशोको धातुः [illegible]सादान्महिमानमात्मनः ॥"* (कठोपनिषद). ल्हानापेक्षां ल्हान व्होडापेक्षां व्होड आशिलो तो आत्मा जीवांतु आत्मरूपान [illegible]. जे जनांक हें ज्ञान आसता ते दुःखांतल्यान मुक्त जाताचि.

**[illegible]). *वासुदेवः* - जो आपण्याले मायाशक्तिन सर्व जीव-जगत् आच्छादित करता, तो.**

*"छादयामि जगद्विश्वं भूत्वा सूर्य इवांशुभिः ।"* सूर्यातरेन सर्व जीव जगत् व्यापून तो नियंत्रित करता. जे जन हें [illegible] ते अत्यंत दुर्लभ आसून तेचि मोक्षाक पात्र आसताचि. *"वासुदेवः सर्वम् इति स महात्मा सुदुर्लभः ।"* [illegible].१९).

**[illegible]). *सर्वासुनिलयः* - जो सर्व जीवांतले निवास स्थान जावनुं आसा, तो.**

सर्वांले काळजांतु आसून परमात्मा प्राणरूपान जीव-जगत् प्रेरित करता.

[illegible]). *अनलः* - जो अग्नि किंवा तेजस्वरूप आसा, तो.

जीवांतु तेज प्रकाशित करनुं परमात्मा तागेले आध्यात्मिक जीवन प्रभावित करता. मनुष्याले अंतःकरणांतु उ वचें तेजाचो अभिमानी दैवत अग्नि आसून ते स्थान तो मनुष्यांक परमात्माले सान्निध्यांतु पावयता. जेन्नां मनु आपण्याले प्रत्येक कार्यांक यज्ञाचे स्वरूप दिता तेन्नां अग्निदेव तागेलें काळजांतले शक्ती आनी तेजाक परमात्मा स्वरूपाचे वैभव दिवयता.

**(७१७). *दर्पहा* - जो सर्वांलो गर्व नाश करता.**

मनुष्य आनी तागेले अंतिम लक्ष्यामदलें मार्गावयरचे येवचे आतंक म्हळ्यार तागेलो अहंकार. परमात्मा परम कृपालू आनी दयालू आशिल्यान साधकाले काळजांतलो राजसिक-तामसिक अहंकार नाश करनुं थंय सात्विकतेचें बीज पेरता. *"यमगृह्णामि तद्विषो विधुमोग्यहम् । यन्मदः पुरुषः स्तब्धो लोकं मां चावमन्यते ।"* जो मनुष्य अहंकाराचे घमेंडीन जगाचि आनी परमात्मालि अवहेलना करता तागेले ऐश्वर्य तो नाश करता, म्हण्णुं भागवत पुराणांतु सांगून भक्तीचें कौतुक केल्यां. *"जन्मकर्मवयोरूपविद्यैश्वर्यधनादिभिः । यद् यस्य न भवेत् स्तम्भस्तत्रायं मदनुग्रहः ॥"* - जे कोणांक जन्म, कर्म, यौवन, रूप, विद्या, ऐश्वर्य, धन इत्यादींक लागून अहंकार येना तांगेले वयर परमात्मालो अनुग्रह आसता.

**(७१८). *दर्पदः* - जो अभिमानाचि भावना प्रदान करता, तो.**

*दर्पहा* आनी *दर्पदः* हे शब्द विरोध प्रवृत्तीचो आभास दाखयताचि. गर्व करचें हें अशुभ लक्षण आसल्यारियी जे तरेन *धर्मविरुद्ध काम* अशुभ मानचांतु येना ते तरेन *धर्माविरुद्ध दर्प* अशुभ आसना. *अहं* शक्ति सृष्टींतु मानवी जीवन सृजनशील करचे प्रधान तत्व जावनुं आसा. *अहं* साक्षात् परमात्मा आसून *अहंता* ही परमात्मालि शक्ति जावनुं आशिल्यान जेन्नां अहंकार मानवी मूल्यांचे विकासाक उपयोजक आसता तेन्नां ताका अभिमानाचे स्वरूप येता, आनी जेन्नां तोचि अहंकार जीवन विकासाक प्रतिकूल जाता तेन्नां तो अहंकार तागेले अवनतीक कारण जाता.

वास्तविक अहंकाराचे अस्तित्वाक लागूनचि परमात्माले *'अहं'*, *'अहेयं'*, *'अस्मि'* *'सर्वदाऽस्तीति मेयं'* असले अविष्कार प्रत्ययेंतु आयले. *"तदात्मानमेवावेदहं ब्रह्मास्मीति । तस्मात् तत् सर्वमभवत ।"* - सर्वांलो अंतर्यामि आशिलो तोचि पूर्ण आनी ब्रह्म आसा हें जाणका. तागेले पासूनचि हें सर्व कांय निर्माण जालें म्हण्णुं बृहदारण्यकोपनिषदांतु सांगल्यां.

**(७१९). *दृप्तः* - जो नित्य तृप्त आसता, तो.**

परमात्मा नित्य तृप्त, *सत् चित् आनंद* आसा. स्वतःस्वातीर ताका कांयी जरूर नासल्यारियी भक्तांले समाधानेस्वातीर "पत्रं पुष्पं फलं तोयं यो मे भक्त्या प्रयच्छति । तदहं भक्त्युपहृतमश्नामि प्रयतात्मनः ॥" (गीता.९.२६). भक्तांनि दिलिलें यःकश्चित् फल-फूल तो स्वीकारता.

**(७२०). *दुर्धरः* - जो अति श्रमान प्राप्त जाता, तो.**

*"एष सर्वेषु भूतेषु गूढात्मा न प्रकाशते । दृश्यते त्वग्र्यया बुद्ध्या सूक्ष्मया सूक्ष्मदर्शिभिः ॥"* (कठोपनिषद) *"नायमात्मा बलहीनेन लभ्यो न च प्रमादत्तपसो वाऽप्यलिंगात् । एतैरुपायैर्यतते यस्तु विद्वांस्तस्यैष आत्मा विशते ब्रह्मधाम ॥"* (मुण्डकापोनिषद) असले उपनिषदांतले विधानांक लागून तागेले ज्ञान मेळचें कित्तलें कठीण आसा, हें दाखयल्यां.

**(७२१). *अपराजितः* - कोण कोणांकडचान बी पराजित जावूं शकना, तो.**

असामान्य बल आशिले परमात्माक कोणियीं किंवा स्वंयचेयी शक्ति पराजय करुं शकनां. पुण जो शक्तिन पराजित जायना तो स्वतःक प्रेम भावनेन बांधून घेता. भागवत पुराण सांगता *"न साधयति मां योगो न सांख्यं धर्म उद्धव । न स्वध्यायस्तपस्त्यागो यथा भक्तिर्ममोर्जिता ॥ भक्त्याहमेकया ग्राह्यः श्रद्धयाऽऽत्मा प्रियः सताम् । भक्तिः पुनाति मन्निष्ठा श्वापकानपि सम्भवात् ॥"*

*विश्वमूर्तिर्महामूर्तिर्दीप्तमूर्तिरमूर्तिमान् ।*
*अनेकमूर्तिरव्यक्तः वतमूर्तिः शताननः ॥ ७७ ॥*

(७२२) . *विश्वमूर्तिः* - जो विश्वव्यापक मूर्ति जावनुं आसा, तो.
(७२३). महामूर्तिः - जो महान् मूर्ति जावनुं आसा, तो.
(७२४). दीप्तमूर्तिः - जो ज्योतिसरूप मूर्ति जावनुं आसा, तो.

परमात्मालो साक्षात्कार विस्तरित आनी व्यापक रूपान विश्वांतले दर एक वस्तूंतु जालिल्यान ताका विश्वमूर्ति, महामूर्ति म्हणचें योग्य आसा. *"नारायणस्य नामानि सर्वाणि वचनानि तु । तत्सामर्थ्याभिधायिनी तमौपरिचिरं विदुः ॥"* म्हणुं श्री मध्वाचार्य सांगताचि. परमात्मालें रूप वास्तवतेंतु प्राकृत नासताना ज्योतिस्वरूप आशिल्यान तो *'ज्योतिषां ज्योतिः'* आसा.

(७२५). *अमूर्तिमान्* - कोणांले स्वरूप अव्यक्त आसा, तो.
(७२६). अनेकमूर्तिः - जो विविधतरेन व्यक्त जाता, तो.

परमात्माले सहस्रनांवाचे उच्चार केलो म्हणणुं तागेलें अनंत रूपाचें वर्णन जाता म्हण्णुं न्हंय. परमात्मा अमूर्त स्वरूपाचो आशिल्यान तागेले अदर्शनीय, अचिंतनीय, अवर्णनीय, अद्वितीय असलें स्वरूपाचें वर्णन हजारो नांवांनि केलिल्यान जायना. श्री मध्वाचार्यांनि स्पष्ट केलिले तरेन तो *"रूप निर्दोषकः सृतिविहीन उदारपूर्णसंविद्गुणः प्रथमकृत् सकलात्मशक्तिः । देकून सर्वगुणैर्ब्रह्मणा तु समुपासते हरिः सदा । अनंदो ज्ञ सदात्मेति ह्युपास्यो मानुषैर्हरिः ॥"* - कदाचित् चतुर्मुख ब्रह्मदेव मात्र श्री हरिले सर्वगुणांनि पूजा करचांतु शक्तालो. तागेलें स्वरूप विश्वांतले दर एक वस्तूंतु आसवनुं तो आनंदमय, सर्वज्ञ, सत् आनी आत्मा म्हण्णुं मनुष्य तागेली पूजा करूं शक्ताले. हेंचि प्रशस्त आसा. *"क्लेशोऽधिकतरस्तेषामव्यक्तासक्तचेतसाम् । अव्यक्ता हि गतिर्दुःखं देहवद्भिरवाप्यते ॥"* (गीता.१२.५). सामान्य मनुष्यांक लागून अव्यक्तोपासना साध्य नाशिल्यान तागेले खातीर सगुणोपासना सांगून दिलिली आसा.

(७२७). अव्यक्तः - जो कोणांकयी व्यक्त जायना, तो.

श्री मध्वाचार्य स्वरेंचि सांगताचि *"को हि तं वेदितुं शक्तो यो न स्यात् तद्विधोऽपरः । तद्विधश्चापरो नास्ति तस्मात् तं वेद स स्वयम् ॥ को हि तं वेदितुं शक्तो नारायणमनामयम् । ऋते सत्यवतीसूनोः कृष्णाद्वा देवकीसुतात् ॥"* - व्यासासमान कोणी एक व्यक्ति जर ना तर परमात्माक स्वंयचे तरेन कोणीं समजू शक्ताले ? ताका केवल व्यास आनी कृष्णचि समजू शक्ताले. *"स्वयमेवात्मनाऽत्मानं वेत्थ त्वं पुरुषोत्तम ।"* (गीता.१०.१५) - तो स्वतः स्वतःक समजू शक्तालो. कारण कृष्ण आनी व्यास साक्षात् श्रीमन्नारायण स्वरूप जावनुं आसाचि - *"कृष्णद्वैपायनं व्यासं विद्धि नारायणं प्रभुम् ।"*

(७२८). *शतमूर्तिः* - जो असंख्य रूपाचो आसा, तो.
(७२९). *शताननः* - जो असंख्य मुखाचो आसा, तो.

परामात्माले रूप सामान्य जीवांक सर्वरीतीन समजचें ना म्हण्णुं असले अतिशयोक्तिचे उदाहरण दिवनुं श्री विष्णु सहस्रनामांवलींतु परमात्माले विस्तृत व्यक्तिमत्वाचें दर्शन करचांतु आयल्या.

*एको नैकः सवः कः किं यत्तत्पदमनुत्तमम् ।*
*लोकबन्धुर्लोकनाथो माधवो भक्तवत्सलः ॥ ७८ ॥*

(७३०). *एकः* - जो केवल एकमात्र आसा, तो.

*"एकः त्वमेव कारयिता नान्योऽस्ति अथापि । एष सर्वोत्तमोऽपि असत्कृतः । एकः सर्वधिको ज्ञेयः एक एव करोति यत् ॥"* (श्री मध्वाचार्य -गीतातात्पर्य). तुंचि एकमात्र सर्व कार्य करतालो आसून दुसरे कोणियी नांचि. *'एकः'* हे शब्दाक लागून तो सर्वापेक्षां श्रेष्ठ आसा म्हण्णुं समजका. एकः म्हळ्यार जो एकलोचि करता, तो.

*"एकमेवाद्वितीयम् इति तत्समोऽधिको वा तदनधीनो वा नास्तीति सतात्पर्य निषिध्यते ॥"* (श्री मध्वाचार्य - बृहदारण्यकोपनिषद्भाष्य). *'एकमेवाद्वितीयम्'* म्हळ्यार तागेले समान, तागेले अधीक किंवा तागेले आधीन नाशिले कोणियीं नांचि. *"न त्वत्समोऽस्त्यभ्यधिकः कुतोऽन्यो लोकत्रयेऽप्यप्रतिमप्रभाव ।"* - म्हण्णुं अर्जुन विचारता.

(७३१). *नैकः* - जो अनेक रूपांचो आसा, तो.

जेन्नां भगवान कृष्ण *"पश्य मे पार्थ रूपाणि शततोऽथ सहस्रशः । नानाविधानि दिव्यानि नानावर्णाकृतीनि च ।"* म्हण्णुं सांगताना *"एकं रूपं हरेर्नित्यमचिंत्यैश्वर्ययोगतः । बहुसंख्यागोचरं च विशेषादेव केवलम् । अभावो यत्र भेदस्य प्रमाणावसितो भवेत् । विशेषो नाम तथैव विशेषव्यवहारवान् ॥"* - परमात्मालें रूप एकचि आसल्यारियी तें अनेकत्तरेन अभिप्रेत जावूं शक्ता. परमात्माले सर्व रूपं अभिन्न आसून तांतूतलो भेद केवल व्यवहाराक लागून आसता. देकून तागेले अद्वितीय अव्यय असले एक रूपांतु आनी अभिव्यक्त जालिले अनेक रूपांतु भेद पोळोवचे ज्ञन अज्ञानी आसताचि.

(७३२). *सवः* - जो यज्ञांतु काडिलो सोम रस आसा, तो.

जेन्नां यज्ञांतु सोमरस विधिपुर्वक काडचांतु येता तेन्नां ते रसाक विशेष महत्व आसता. तो रस प्राकृतिक रस आस नासताना तो आध्यात्मिक स्वरूपाचो, परमानंद स्वरूपाचो आसता. यज्ञवेधि जर परमोच्च कार्यक्षेत्र म्हण्णुं मानलें तर क्रियायज्ञाचें प्रभवक्षेत्र प्राण आनी ज्ञानयज्ञाचें प्रभवक्षेत्र मन म्हण्णुं समजका. जेन्नां क्रिया आनी ज्ञान समीधा म्हण्णुं वापरचांतु येताचि तेन्नां ते यज्ञांतल्यान ज्ञान-विज्ञानासयत परमोच्च आनंद प्रगट जाता. *'सव'* नांवाचे यज्ञांतु सोम रस विशेष ज्ञान आनी आनंदाचे प्रतीक म्हण्णुं पिवचांतु येता. जेन्नां ज्ञान आनी विज्ञानाचो परमानंद मेळ्ता तेन्नाचि अपरोक्षज्ञान वैभवाचो अविष्कार जाता. देकून श्री कृष्ण अर्जुनाक आश्वासन दिता *"ज्ञानं तेऽहं सविज्ञानमिदं वक्ष्याम्यशेषतः । तज्ज्ञात्वा नेह भूयोऽन्यज्ज्ञातव्यमवशिष्यते ॥"* (गीता.७.२)

(७३३). *कः* - जो सुख आनी ब्रह्मानंदस्वरूप जावनुं आसा, तो.

जेन्नां परमात्मालें अचिन्त्य स्वरूपाचे ध्यान धरचें आसता तेन्नां ते प्रजापति हिरण्यगर्भाचें ध्यान *कः* म्हण्णुं धरचांतु येता. *"कस्मै देवाय हविषा विधेम ।"* कारण परमानंद स्वरूप परमात्मा आनी तागेलें ज्ञान-विज्ञानांतु भेद आसना.

(७३४). *किम्* - जो ब्रह्मतत्व जावनुं आसा, तो.

*"किं तद्ब्रह्म"* अर्जुनाले हे प्रश्नयाक *"अक्षरं ब्रह्म परमं"* - तें परम ब्रह्मचि *'किं'* हे शब्दान जाणचें आसता म्हण्णुं कृष्णलें उत्तर आसता.

(७३५). *यत्* - जें जो जगांतु जें कांय आसा, तो.
(७३६). *तत्* - जो जगांतु तें ब्रह्म जावनुं आसा, तो.

अनिर्वचनीय परमात्मालें स्पचि हे विश्वांतु अविर्भूत जावनुं सर्व सत्य जावनुं आसा. *"यतो वा इमानि भूतानि जायन्ते" "यतो वाचो निवर्तन्ते अप्राप्य मनसा सह"* हे तरेन उपनिषदेंतु, *"ॐ तत् सद् इति निर्देशो ब्रह्मणम् त्रिविध: स्मृत: ।"* म्हण्णुं गीतेंतु (१७.२३) स्पष्ट करचांतु आयल्यां.

**(७३७). *पदमनुत्तमम्* - जो सर्वापेक्षां श्रेष्ठ पदाचो जावनुं आसा, तो.**

विष्णु सहस्रनामांचें श्रेष्ठत्व केवल नामजपांतु नासताना ते ते नांवांचे मागशी अशिलें ब्रह्मतत्व समजचांतु आसता. कारण श्री विष्णुले परम सान्निध्य प्राप्त जालिल्यानचि मनुष्यालें अंतिम लक्ष्याचो आनंद मेळ्ता.

**(७३८). *लोकबन्धु:* - जो सर्व जनांलो सुहृद, सखा जावनुं आसा, तो.**

सुहृद तो आसता जो भक्तांले लागीं आसून तांगेले भविष्याचि आनी कल्याणाचि काळ्जि घेता. श्री कृष्णबी अर्जुनाक ते पुरातन योगाचो उपदेश करताना सांगता, *"स एवायं मया तेऽद्य योग: प्रोक्त: पुरातन: । भक्तोऽसि मे सखा चेति रहस्यं ह्येतदुत्तमम् ॥"* (गीता.४.३).

**(७३९). *लोकनाथ:* - जो सर्व जनांलो स्वामी जावनुं आसा, तो.**

विश्वाचो निर्माण करनुं ताजें नियंत्रणबी तोचि करत आशिल्यान तो एकमात्र स्वतंत्र आसून विंगड सर्व अ-स्वतंत्र आनी तागेले शक्तीवयर अवलंबित आसताचि. तोचि सर्व सृष्टीचो स्वामी आसून तागेले इच्छेशिवाय कांयी प्रत्ययेंतु येना.

**(७४०). *माधव:* - जो विद्या पुरस्कृत करता, तो.**

माधवाचो अर्थ विद्येचो पुरस्कार करचो परमात्मा म्हण्णुं जाता. ताका लागून सृष्टीचें स्वरूप रसमय, मधुमय विनय आनंदमय आसा. *"मा विद्या च हरे: प्रोक्ता तस्या ईशो यतो भवान् तस्मान्माधवनामासि धव: स्वामीति शब्दित: ॥"* - *'मा'* हें ज्ञान सूचित करत आसून *'धव'* प्रेरक किंवा स्वामी म्हण्णुं आशिल्यान हरीलें नांव *माधव* म्हण्णुं हरिवंशांतु सांगल्या.

**(७४१). *भक्तवत्सल:* - कोणाक भक्तांविशय अत्यंत करूणाभाव आसा, तो.**

भज हे शब्दाचो अर्थ, आश्रय घेवचें, सेवा करचि, पूजा करचि, उपासना इत्यादि म्हण्णुं करचांतु येता. जे मनुष्याक भगवंताविशय अपार आनी अनिर्बन्ध प्रेम आनी आकर्षण आसता तोचि भक्त म्हण्णुं घेवूं शक्ता. असले भक्तांप्रति भगवंताले मनबी आकर्षित आसता. *"अनन्याश्चिन्तयन्तो मां ये जना: पर्युपासते । तेषां नित्याभियुक्तानां योगक्षेमं वहाम्यहम् ॥ . . . प्रतिजानीहि न मे भक्त: प्रणश्यति ।"* (गीता.९.२६-३१)

*सुवर्णवर्णो हेमाङ्गो वराङ्गश्चन्दनाङ्गदी ।*
*वीरहा विषय: शून्यो धृताशीरचलश्चल: ॥ ७९ ॥*

**(७४२). *सुवर्णवर्ण:* - जो भांगराचे रंगाचो आसा, तो.**
**(७४३). *हेमाङ्ग:* - जो भांगराचे अवयवाचो आसा, तो.**
**(७४४). *वराङ्ग:* - जो श्रेष्ठ अवयवांचो आसा, तो.**

जेन्नां परमात्मालें दर्शन जाता तेन्नां तागेलें स्वरूप सहस्र सूर्याले तेजातरेन दीपता. *"दिवि सूर्यसहस्रस्य भवेद्युगपदुत्थिता । यदि भा: सदृशी सा स्याद्भासस्तस्य महात्मन: ॥"* म्हण्णुं गीतेंतु (११.१२) वर्णन केलिलें आसा. *भग*

हे शब्दांतु भाग्यवान्, ऐश्वर्यवान्, वैभवसंपन्न, सौभाग्यसंपन्न, सौंदर्यसंपन्न, श्री-संपत्तीचो स्वामी, उदार दाता इत्यादि अर्थ समावेश जालिले आसाचि. भगवानाक *हिरण्यपाणि, हिरण्यहस्त, हिरण्याक्ष, हिरण्यजिव्ह,* म्हण्णुं उल्लेख करचांतु येता. *"भग एव भगवाँ अस्तु देवास्तेन वयं भगवन्तः स्याम् ।"* - भगदेव भगवान-धनवान् आसून ते देवाक लागून आमि धनवंत जावूं म्हण्णुं परमात्मालें हिरण्यगर्भ श्रेष्ठ आनी सुवर्णवर्णाचें आसा म्हण्णुं दर्शायल्यां. *"यदा पश्यः पश्यते रुक्मवर्णं कर्तारमीशं पुरुषं ब्रह्मयोनीम् । तदा विद्वान् पुण्यपापे विधूय निरंजनं परमं साम्यमुपैति ॥"* (मुण्डकोपनिषद). भांगरातरेन झगझगचे भगवंतालें दर्शन जालिलो ज्ञानि आपण्यालें सर्व पापं धूवनुं परमपद प्राप्त करता.

### (७४५). *चन्दनांगदी* - कोणांले आंग चंदनाचे सुगंधान सुवासित आसा, तो.

चंदनाचो सहवास अशिल्यांक सुवास आनी शीतलता हे दोन्नींचो सुभग संयोग लाभता. भगवंताले सान्निध्यांतु आयिलो साधक भगवद्प्रसाद मेळयिले शिवाय उरना.

### (७४६). *वीरहा* - जो शक्तिवानांक सुद्धां हारयता, तो.

*"बलं बलवतां चाहं"* (गीता.७.११) म्हण्णुं परमात्मालें वीर्य आनी शक्ति विषय ओळख करनुं दिलिली आसा. *"न त्वत्समोऽस्त्यभ्यधिकः कुतोऽन्यो लोकत्रयेऽप्यप्रतिमप्रभाव ।"* म्हण्णुं अर्जुनान विचारचें योग्यचि जावनुं आसा. सज्जनांले रक्षण आनी दुर्जनांलो नाश करचे स्वातीर भगवंतान युगान युग आपण्याले वीर्यधर्माचें दर्शन घडयल्यां.

### (७४७). *विषमः* - जो अद्वितीय आनी विलक्षण आशिल्यान विकारशून्य सा, तो.

शब्दांनि तागेलें वर्णन करचाक जायना आनी उत्रांनि ताका बांदचें साध्य जायना. *"एकमेवाद्वितीयम् ।" "नेति नेति" "नेह नानास्ति किंचन ।" "नास्ति नारायणसमं न भूतं न भविष्यति ।"* हे तरेचे उद्गार काडनुं मनुष्यालि असाहयता दाखोवचांतु येत आसता.

### (७४८). *शून्यः* - जो अखेरीक श्रीमन्नारायणरूप आसता, तो.

शून्य शब्द अस्तित्व अभाव दर्शायना. शून्याक (०) यथार्थ आनी शक्ति आसा हें भारतीय विज्ञान-संस्कृतीन सिद्ध करनुं दाखयल्यां. पुण हें शून्य स्वयं आसता, तें महत्वाचें आसता. तें शून्य आंकड्या पयले दवरलें तर ते शून्याचि स्वरूप आनी शक्ति अ-प्रकट आसता; जर तें शून्य आंकड्यानंतर दवरल्यार जे जे प्रमाणान तें दवरलें ते ते प्रमाणान ते आंकड्याचि शक्ति आनी महत्व कमीं जास्त जाता. जीव-जगत् हे नित्य आसल्यारियी ते अस्वतंत्र आशिल्यान तांगेले अस्तित्व आनी महत्व तांचे मुखार कित्तले शून्य आसाचि हाजे वयर अवलंबून आसा. सामान्य जीव आनी ब्रह्मादि देवांतु आशिलें तारतम्य हे शून्यांचे गणितावयर आसा. जीवांमुखार आशिले शून्यशक्ति पेक्षां ब्रह्मादि देवांमुखार आशिलि शून्य शक्ति असामान्य आशिल्यान तांगेले स्थान महत्वाचें आनी जीवांले गौण स्थान आसता. हेंचि देव आनी मनुष्यांमदलें तारतम्य आसता.

हे तरेन शून्याचो अर्थ जर समजलो तर परमात्मालि सुप्तावस्थेंतु आसचि अव्यक्त शक्ति तीचि व्यक्त सरुपांतु सर्जनशील आनी प्रेरक शक्तींतु परिवर्तित जाता म्हण्णुं स्वीकारचें कठीण जावचें ना. आनी परमात्माक शून्य हें नांव कित्याक दिवचांतु आयल्यां हें लक्ष्यांतु येतालें.

सृष्टी निर्मितीचे पयलेचे परमात्मालें स्वरूप सुप्तावस्थेंतु शून्य (०) शक्ति सयत आशिलें जेन्नां हे शून्यान सृष्टी निर्माण करचो संकल्प केलो तेन्नां ताणें निर्माण केलिले जड-स्वरूप सृष्टीक शून्यान आपण्यालि शक्ति प्रदान केलिल्यान ते सृष्टीक अस्तित्व आनी महत्व आयलें. जर ते जड-सृष्टीक शून्याचो संबंध आयिलो नाशिलो तर ती सृष्टीक प्रेरणा मेळिले नाशिल्यान ती सृजनशील जायनाशिलि. वास्तविक सृष्टी स्वतः अस्वतंत्र आसून शून्याचे शक्तिक लागूनचि अस्तित्व येता.

श्री मध्वाचार्य एक दुसरे संदर्भांतु परमात्माले हे शक्ति विशय सांगताचि - *"अहंशब्दो यतो विष्णौ ततश्चोत्तमपूरुषाः । वर्तन्तेऽभर्वमित्याद्याः सर्वांतरस्थे जनार्दने ॥ मनुरेषोऽवभोधत्वान्मन्वंतस्थो जनार्दनः । स ह्याचारानुवाचेशः प्रेरयन् मनुमानसम् ॥ स एव सूरिभिः प्राप्यः सूर्यांतस्थो मुमुक्षुभिः । स एव कक्षगैः सेव्यः कक्षीवति समास्थितः ॥ स एव शुक्रसंस्थस्तु नीतीः कवयति सयम् । यतः कविः स कामस्य प्रेरणादुशना स्मृतः ॥ स एव शंबरपुरो बिभेदेंद्रे व्यवस्थितः । सर्वांतर्यामकत्वात्तु सर्वकर्मा स एव ही ॥"* (बृहदारण्यकोपनिषद्भाष्य).

भागवत पुराण सांगता *"सोऽन्तःशरीरेऽर्पितभूतसूक्ष्मः कालात्मिकां शक्तिमुदीरयाणः । उवास तस्मिन् सलीले पदे स्वे यथानलो दारुणि रुद्धवीर्यः ॥"* - लाकडांतु अग्नि सुप्तावस्थेंतु आसचे तरेन सर्व जीवांक आनी सूक्ष्म शक्तींक आपण्याले अंतःशरीरांतु आवरण घालनुं दवरनुं तो परमात्मा प्रवाहरूपी उदकांतु निदिलो.

प्रलयकालांतु अव्यक्त चिदानंद रूपान अनंत सागरांतु आसचो परमात्मा आपण्याले संकल्पाक लागून नामरूप धारण करता आनी हिरण्यगर्भ, पुरुष रूपान प्रगट जाता. प्रलयकालांतु जो शून्य स्वरूपान आसता तोचि नारायण-वासुदेव-संकर्षण-प्रद्युम्न-अनिरुद्धादि पंचरूपान, मत्स्यादि दशरूपान, केशवादि द्वादशरूपान, नारायणादि शतरूपान, विश्वादि सहस्ररूपान, पर आनी अमित रूपान, सर्वरूपांतु एकसम आसून, सकलदोषांशिवाय पूर्णगुणांनि परिपूर्ण आसता.

(७४९). *घृताशी* - जो यज्ञांतु तूप भक्षण करता, तो.

*"यः स विष्णुर्यज्ञः सः ।"* (शतपथ ब्राह्मण) यज्ञ म्हळ्यार विष्णूचि आसा. देकून स्थूल यज्ञांतले अग्नींतु तूप अर्पण करचें आनी सूक्ष्मरूपान अशिले यज्ञरूपी विष्णूक मनुष्यान आपण्याले कर्तुत्व अर्पण करचें सारखेंचि आसा. देकून श्री कृष्ण परत परत सांगत आसता कीं *"मयी सर्वाणि कर्माणि संन्यस्याध्यात्मचेतसा । निराशीर्निर्ममो भूत्वा युध्यस्व विगतज्वरः ॥" "भोक्तारं यज्ञतपसां सर्वलोकमहेश्वरम् । सुहृदं सर्वभूतानां ज्ञात्वा मां शान्तिमृच्छति ॥"* (गीता.३.३०; ५.२०). *"यज्ञो दानं तपश्चैव पावनानि मनीषिणाम् ॥ एतान्यपि तु कर्माणि सङ्गं त्यक्त्वा फलानि च । कर्तव्यनीति मे पार्थ निश्चितं मतमुत्तमम् ॥"* (गीता.१८.५-६) म्हण्णुं परमात्मा आपण्यालें निश्चित मत सांगता.

(७५०). *अचलः* - जो अखंड आनी अविकारी परमतत्व आसा, तो.
(७५१). *चलः* - जो अनेकरूपान अविष्कार पावचें परमतत्व आसाछ तो.

संघटित रूपान आशिली ज्ञानशक्ति जेन्नां विकसित रूपान सर्व संसारभर पसरता तेन्नां ती चल-अचल, सत्-असत्, नित्य-अनित्य, निकट-अतिदूर हे तरेन प्रत्ययेंतु येता. *"तद्धावतोऽन्यानत्येति . . . तद्दूरे तद्वन्तिके । तदन्तरस्य सर्वस्य तदु सर्वस्य बाह्यतः ॥"* (ईशोपनिषद).

*अमानीमानदो मान्यो लोकस्वामी त्रिलोकधृक् ।*
*सुमेधा मेधजो धन्यः सत्यमेधा धराधरः ॥ ८० ॥*

(७५२). *अमानी* - कोणाक गर्व ना, तो.

दम्भ, अहंकार आनी अभिमान हे अज्ञानाचे, तामसिक गुणांचे लक्षणं आसाचि. *"दम्भो दर्पोऽभिमानश्च क्रोधः पारुष्यमेव च । अज्ञानं चाभिजातस्य पार्थ सम्पदासुरीम् । . . . अहंकारं बलं दर्पं कामं क्रोधं च संश्रिताः ।*

*मामात्मपरदेहेषु प्रद्विषन्तोऽभ्यसूयकाः ॥"* (गीता.१६.४ आनी १८) म्हण्णुं श्री कृष्ण दम्भ आनी अभिमानाचें स्वरूप दाखयता. अहंकारान ग्रस्त जालिलो मनुष्य 'आयज हांवे हें मेळ्यल्यां, फाल्या हांवु तें मेळ्यतां; आयज मेगेलागीं इतले धन आसा, फाल्या जास्त धन मेळ्यता' म्हण्णुं उलयता. *"ईश्वरोऽहमहं भोगी सिद्धोऽहं बलवान्सुखी ।"* (गीता.१६.१३-१४). गर्व नाशिलो मनुष्य आपण्यान मागशीं केल्लिें, आतां आनी हाजे मुखार करचें कार्य हें ते सर्वस्वतंत्र परमात्माले शक्तीक लागूनचि आसा आनी आपूण अ-स्वतंत्र अशिल्यान तागेलो आधार घेतां म्हण्णुं मानता.

जे तरेन अग्निचो उपयोग दुष्कृती खातीर केल्लिे तरेन सुकृती खातीरबी करचें साध्य जाता ते तरेन होचि अहंकार आनी अभिमान सत्वगुणांक लागून लोकक्ल्याणाखातीर प्रवृत्त जाता तर तांका कर्तुत्वाचो सुगंध येता. कारण क्षेत्राचि (सृष्टीचि) रचनाचि परमात्मान ते तरेन केल्लिी आसा. *"महाभूतान्यहङ्कारो बुद्धिरव्यक्तमेव च । इन्द्रियाणि दशैकं च पञ्च चेन्द्रियगोचराः ॥ इच्छा द्वेषः सुखं दुःखं सङ्घातश्चेतना धृतिः । एतत्क्षेत्रं समासेन सविकारमुदाहृतम् ॥"* (१३.६-७). आनी हे विलक्षण गुणांनि परिपूर्ण आशिलें क्षेत्र केवल परमात्मा जाणता, देकून ताकाचि क्षेत्रज्ञ म्हणचांतु येता. तोचि ते क्षेत्राचो स्वामी आसून क्षेत्राचे सर्व कार्य तोचि निमयित कराता. *"क्षेत्रज्ञं चापि मां विद्धि सर्व क्षेत्रेषु भारत । क्षेत्रक्षेत्रज्ञयोर्ज्ञानं यत्तज्ज्ञानं मतं मम ॥"* (गीता.१३.३).

जे तरेन *'धर्माविरुद्धो भूतेषु कामोऽस्मि'* म्हण्णुं श्री कृष्ण आपण्यालि ओळख करनुं दिता तेचि तरेन *धर्माविरुद्धो अहंकारबी* भगवद्रूपचि आसता.

**(७५३). *मानदः* - जो भक्तजानांलो सन्मान करता, तो.**

*"यो मां पश्यति सर्वत्र सर्वं पश्यति च मयी पश्यति । तस्याहं न प्रणश्यामि स च मे न प्रणश्यति ॥ . . . यो यो यां यां तनुं भक्तः श्रद्धयार्चितुमिच्छति । तस्य तस्याचलां श्रद्धां तामेव विदधाम्यहम् ॥"* (७.२१) *"अनन्याश्चिन्तयन्तो मां ये जनाः पर्युपासते । तेषां नित्याभियुक्तनां योगक्षेमं वहाम्यहम् ॥"* (९.२२) असले आनी इतर वचनांनि परमात्मा आपण्याले भक्तांविशय आशिलो प्रेम आनी सन्मान दाखयता.

**(७५४). *मान्यः* - जो सर्व जनांतु पूजनीय आसा, तो.**
**(७५५). *लोकस्वामी* - जो सर्व लोकांलो स्वामी आसा, तो.**
**(७५६). *लोकधृक्* - सर्व लोकांचो आधार जावनुं आसा, तो.**

परमात्मा सर्व विश्वाचो निर्माणकर्ता आनी नियंता आशिल्यान तागेलि आज्ञा सर्व मानताचि. *"सर्वज्ञः ईश्वरतमः स च सर्वशक्तिः पूर्णाव्ययात्मबलचित्सुखवीर्यसारः । यस्याज्ञया रहितमिंदिरया समेतं ब्रह्मेशपूर्वकमिदं न तुँ कस्य चेशम् ॥"* तो सर्व विश्वाचो धारक आनी स्वामी आशिल्यान तोचि सर्वांक पूज्य आसा.

**(७५७). *सुमेधाः* - कोणांलि बुद्धि शुभसंकल्परूपी आसा, तो.**
**(७५८). *मेधजः* - कोणांलि बुद्धि यज्ञांतल्यान पावन जालिले तरेन पवित्र आसा, तो.**
**(७५९). *धन्यः* - कोणांलि बुद्धि अहंकारान आवृत्त जालिले नाशिल्यान जो कृतार्थ आसा, तो.**
**(७६०). *सत्यमेधः* - कोणांलि प्रज्ञा सत्य स्वरूप आसा, तो.**
**(७६१) *धराधरः* - कोणें समस्त सृष्टी धारण केल्या, तो.**

मनुष्याले मुखार प्रेय आनी श्रेय हे दोन्निंयी येताचि. अविचारी मनुष्य इन्द्रियासक्त जावनुं क्षणाचें सुख स्वीकारता. पुण जे मनुष्याले विवेक जागे जालिले आसा तो नित्य-अनित्यांचो विचार करनुं आपण्यालें बुद्धिचे विवेकाक लागून जें नित्य, शाश्वत आनी इन्द्रियातीत आनंद दिता, तेंचि स्वीकारता. असले मनुष्याले जीवन धन्य आनी कर्म कृतार्थ आसता. तोचि परमात्माले परम पद प्राप्त करता. *"वीतरागभयक्रोधा मन्मया मामुपश्रिताः । बहवो ज्ञानतपसा पूता मद्भावमागता ॥"* (४.१०) *"न प्रहृष्येत्प्रियः प्राप्य नोद्विजेत्प्राप्य चाप्रियम् । स्थिरबुद्धिरसम्मूढो ब्रह्मविद् ब्रह्मणि स्थितः ॥"* (५.२०).

धर्माचे तीन फांदे आसताचि म्हण्णुं छांदोग्योपनिषदेंतु सांगल्यां - *"त्रयो धर्म स्कन्धाः । यज्ञोऽध्ययनं दानमिति प्रथमः । तप एव द्वितीयः । ब्रह्मचार्याचार्यकुलवासी तृतीयोऽत्यंतमात्मानमाचार्यकुलेऽव सादयन् । सर्व एते पुण्यलोका भवन्ति ।"* - यज्ञ, अध्ययन, दान, तप, गुरुकुलांतले ब्रह्मचर्य पालन - हे सर्वांक लागून मनुष्यालें जीवन पावन-पवित्र जाता तोचि स्वर्गसुखाक अधिकारी आसा.

तेचि तरेन छांदोग्योपनिषदेंतु मुखारसरनुं म्हळ्ळ्यां - *"अथ यद्यज्ञ इत्याचक्षते ब्रह्मचर्यमेव तत् । ब्रह्मचर्येण ह्येव यो ज्ञाता तं विंदते । अथ यदिष्टमित्याचक्षते ब्रह्मचर्यमेव तत् । ब्रह्मचर्येण ह्येवेष्टाऽऽत्मानमनुविन्दते ॥"* - वास्तविक ब्रह्मज्ञानाखातीर करचें शिस्तीचें आचरण यज्ञ आसून जो आपण्यालें कर्तृत्व यज्ञ स्थान परमात्माक अर्पण करता तोचि खरो साधक आसा.

अथर्ववेदांतु स्पष्टायता - *"सत्यं बृहद् ऋतं उग्रं दीक्षा तपो ब्रह्म यज्ञः पृथिवीं धारयन्ति ॥"*.

***तेजोवृषो ध्युतिधरः सर्वशस्त्रभृतांवरः ।***
***प्रग्रहा निग्रहो व्यग्रो नैकश्रृङ्गो गदाग्रजः ॥ ८१ ॥***

(७६२). *तेजोवृषः* - जो तेज वर्षण करता, तो.

जे तरेन फुलान स्पर्श जालिले मनुष्याले सर्वांग फुलाचे सुंगंधान परमळ्ता, ते तरेन भगवंताले भक्तिन प्रभावित जालिले मनुष्याले तन-मन भगवंतालें तेज, शक्ति, वीर्य, आनी ऐश्वर्याचे पावसान भिजता. मनुष्याले अंतिम लक्ष्य असत्या पासून सत्यादिकान, अंधःकाररूपी अज्ञानापासून ज्योतिस्वरूप ज्ञानादिकान, मृत्युपासून अमृतत्वादिकान प्रगति करचि आसता - असतो मा सद्गमय । तमसो मा ज्योतिर्गमय । मृत्योर्माऽमृतं गमय ।

जेन्नां भक्त भगवंताले प्रकाशान, तेजान आनी ज्ञान-विज्ञानान परिपक्व जाता तेन्नां तो आपण्यालें निजस्वरूप जाणता आनी ताकाचि मुक्ति किंवा मोक्ष म्हणताचि.

(७६३). *द्युतिधरः* - कोणें कांति, प्रभा, तेज आनी ओजस् धारण केल्यां, तो.

परमात्माक *आदित्यवर्णः हिरण्यवर्णः रुक्मवर्णः* म्हण्णुं वर्णन केल्लियान तो कांति, प्रभा, तेज, ओजान प्रभावित जालिलो आसा म्हण्णुं न्हंय तर तार्णे कांति, प्रभा, तेजा आनी ओजस् धारण केल्लियान तो तांचो प्रवर्तक आसा. तागेल्यांतु सर्व दिकांचे तेज संग्रहित जालिलें नासताना तागेल्यांतले स्वाभाविक सहज तेज प्रवाहरूपान विश्वांतु पसरता. *"यद्यद्विभूतिमत्सत्वं श्रीमदूर्जितमेव वा । तत्तदेवावगच्छ त्वं मम तेजोंऽशसम्भवम् ॥"* (गीता.१०.४१)

(७६४). *सर्वशस्त्रभुतां वरः* - जो सर्व तेजाचें श्रेष्ठ प्रतीक जावनुं आसा, तो.

परमात्मा तेजाचें श्रेष्ठ प्रतीक आशिल्यान सर्व शस्त्रं तागेले तेजान प्रभावित जाताचि. शस्त्राचो अर्थ केवल दुष्टांक संहार करचें आयुध म्हण्णुं सीमित करत नासताना मनुष्यांले भितरले शत्रूंक दमन आनी विनाश करचें शास्त्र आसा. जे तरेन वयर उभारिलें शस्त्र शौर्याचे प्रतीक आसा तेचि तरेन भात्यांतु दवरिले बाण आनी खांद्यावयर दवरिलो धनुष्यबी इन्द्रिय निग्रहाचें लक्षण आसा.

जे तरेन तो धर्माचे नियमं घालनुं दिता ते तरेन तो ते धर्मांचे परिपालनबी करता. "ब्रह्मन् धर्मस्य वक्ताहं कर्ता तदनुमोहिता ।" म्हण्णुं भागवत पुराणांतु सांगल्यां.

(७६५). *प्रग्रहः* - जो स्वंयचेयी तत्वांचे अनादर करत नासताना तांचे ग्रहण करता, तो.
(७६६). *निग्रहः* - जो इन्द्रियांक वश करता, तो.

मनुष्याले जीवनांतु नित्य-अनित्य, सत्य-असत्य, बरें-वायट, सुख-दुःख येत आसताचि - हें संसारांतले न विसरचें तसलें तत्व आसा. हें ध्यानांतु दवरनुं जो मनुष्य आपण्याले इन्द्रियांवयर आनी मनावयर नियंत्रण दवरता तोचि

ज्ञानी म्हण्णुं मानचांतु येता. कठोपनिशदांतु शरीराक रथ, बुद्धिक सारथी, इन्द्रियांक घोडे आनी मनाक घोड्यांक नियंत्रणेंतु दवरचे पाश म्हळ्यां. जो मनुष्य अज्ञानी आशिल्यान आपण्याले मनावयर नियंत्रण दवरना, तागेले इन्द्रियं, नियंत्रणेंतु नाशिले घोड्यातरेन, ताका स्वैरास्वैर व्हरताचि आनी तागेलो जीवन-रथ चूक मार्गावयल्यान वता. देकून मनुष्यान आपण्याले प्रग्रह - घोड्याक नियंत्रणेंतु दवरचे पाश - नियंत्रणेंतु दवरका. परमात्मालीं सर्व नांवं ज्ञान प्रवर्तक आसून तागेले प्रग्रहः हे नांवांचो अर्थ समजून मनावयर निग्रह नियंत्रण दवरका.

**(७६७). *व्यग्रः* - जो भक्तांले विकासाखातीर सदा चिंतित आसता, तो.**

परामात्मा आपण्याले भक्तांले हिताचे चिंतन निरंतर करता.

**(७६८). *नैकश्रृंगः* - कोणाक अनेक तरेचि शिंगं आसाचि, तो.**

मानवी संस्कृतींतु शिंग सौभाग्य, शौर्य, वीर्य आनी प्रभुत्वाचें प्रतीक म्हण्णुं वापरचांतु येता. देवांले किंवा राजाले माथ्यावयलें मुकुटांतु शिंगाचो वापर करचांतु येवची आनी लग्नसमारंभांतु व्होरेताक बाशिंग बांदचि प्रथा ते ते देवांतु आसचे सौभाग्य, शौर्य आनी वीर्य किंवा तसले सौभाग्य, शौर्य, वीर्य प्राप्त जावूं म्हळ्ळे इच्छेचि कल्पना आसता. ऋग्वेदांतले 'चत्वारि श्रृङ्गा' म्हण्णुं परमात्मालें जालिलें वर्णन लक्षांतु घेवचें तशें आसा.

**(७६९). *गदाग्रजः* - कोणें वाणीचो पुढाकार घेतिलो आसा, तो.**

शब्द प्रगट जावचे पयलें प्रकाश प्रगट जाता, हो प्रकृतिचो नियम आसा. वाणीचो उगम प्रकाशाचे विस्फोटाक लागून जाता. भगवंताले दर्शन जाले नंतर तागेले नाम उच्चार जाता. देकून परमात्म दर्शन आनी नामसंकीर्तनांतु आसचो लागीचो संबंध. ऋषींनी वेदांतले मंत्रं पयलें पळयले म्हण्णुं तांका मंत्रद्रष्टा म्हणताचि. तांगेले शुद्ध, पावन आनी पवित्र मनांतु जेन्नां परमात्मालें तेज झळ्ळ्लें तेन्नां तार्णी आपण्याले अकलन शक्तिक आनी वाक् चातुर्याक लागून स्फुरण दिलें म्हण्णीं तांका कवि, क्रान्तदर्शी म्हणताचि. प्रत्येक मनुष्याले अंतरात्मांतु परमात्मा आशिल्यान जर तांगेले जीवन पावन आनी पवित्र उरलें तर तांका परमात्माले अपरोक्षज्ञानाचो काळ दूर आसचो ना.

*चतुर्मूर्तिश्चतुर्बाहुश्चतुर्व्यूहश्चतुर्गतिः ।*
*चतुरात्मा चतुर्भावश्चतुर्वेदविदेकपात् ॥ ८२ ॥*

**(७७०). चतुर्मूर्तिः - कोण चार रूपं धारण करता, तो.**

मांडूक्योपोनिषदांतले *"सर्वं ह्येतद् ब्रह्म । अयमात्मा ब्रह्म । सोऽयमात्मा चतुष्पात् ॥"* हे मंत्रावयर भाष्य करताना श्री मध्वाचार्य म्हणताचि, *"एष चतुरूप आत्मा सर्वज्ञत्वसर्वैश्वरत्वादिलक्षणः । परमात्मा चतुरूपः सर्वप्राणिशरीरगः । विश्वश्च तैजसः प्राज्ञस्तुरीयश्चेति कथ्यते । तानि रूपाणि सर्वाणि पूर्णानन्दमयानि तु । चेतोमुखानि सर्वणि पूर्णानन्दस्वरूपतः ॥"* परमात्मा विश्व, तेजस्, प्राज्ञ आनी तुरीय रूपान मनुष्याक जागृत, स्वप्न, सुषुप्ति आनी स्वात्मस्वरूपांतु प्रेरित करत आसून तीं सर्व पूर्णानंदस्वरूप आसाचि.

**(७७१). चतुर्बाहुः - कोणाक चार हात आसाचि, तो.**

श्री विष्णुले प्रकटरूप साधारणतः चतुर्हस्त आसून तेंचि मनाक शांति प्रदान करता. देकून भगवंताले विश्वरूप पोळ्येवनुं भयग्रस्त जालिलो अर्जुन श्री कृष्णाक आपण्याक परत चतुर्बाहु रूप दाखोवचाक प्रार्थन करता. *"अदृष्टपूर्वं हृषितोऽस्मि दृष्ट्वा भयेन च प्रव्यथितं मनो मे । तदेव मे दर्शय देव रूपं प्रसीद देवेश जगन्निवास ॥ किरीटिनं गदिनं चक्रहस्तमिच्छामि त्वां द्रष्टुमहं तथैव । तेनैव रूपेण चतुर्भुजेन सहस्रबाहो भव विश्वमूर्ते ॥"* (गीता.११.४५-४६).

**(७७२). चतुर्व्यूहः - जो चार व्यूहान अवतरण जाता, तो.**

भागवत पुराणाचे सुरवातीकचि पयले स्कन्धांतु सांगल्या *"यदत्र क्रियते कर्म भगवत्परितोषणम् । ज्ञानं यत्तदधीनं हि भक्तियोगसमन्वितम् ॥ कुर्वाणा यत्र कर्माणि भगवच्छिक्षयासकृत् । गृणन्ति गुणनामानि कृष्णस्यानुस्मरन्ति च ॥ नमो भगवते तुभ्यं वासुदेवाय धीमहि । प्रद्युम्नयानिरुद्धाय नमः संकर्षणाय च ॥ इति मूर्त्यभिधानेन मन्त्रमूर्तिममूर्तिकम् । यजते यज्ञपुरुषं स सम्यग्दर्शनः पुमान् ॥"* - संसारांतलिं कर्म परमात्माले चरणांतु अर्पण केल्यार भक्ति आनी ज्ञान प्राप्त जाता. वासुदेवाले मूर्त स्वरूपावयर ध्यान आनी वासुदेव-प्रद्युम्न-संकर्षण-अनिरुद्ध हे चार रूपांचे मनन केल्यार यज्ञस्वरूप परमात्मालें सूक्ष्म दर्शन मंत्रांचे माध्यमान व्यक्त जावनुं अपरोक्ष ज्ञान मेळ्ता.

## (७७३). चतुर्गतिः - कोणांले अंतिम लक्ष्य चार रीतीन प्राप्त जाता, तो.

*"आश्रमाणां वर्णानां चतुर्णां यथोक्तकारिणां गतिः चतुर्गतिः ॥"* म्हण्णुं श्री शंकराचार्य स्पष्टायताचि. ब्रह्मचर्य, गृहस्थ, वानप्रस्थ आनी सन्यास हीं चार आश्रम आनी ब्राह्मण, क्षत्रिय, वैश्य आनी शूद्र हीं चार वर्ण मनुष्याले अंतिम लक्ष्याचे साधन जावनुं आसाचि.

हे चार आश्रमं आनी चार वर्णांचे रहस्य समजल्यार दिसून येतालें कीं ब्रह्मचर्य हें साधकान गुरुकुलांतु निवास करनुं ब्रह्मज्ञान, धर्म-अधर्म, नित्य-अनित्य, भौतिक आनी आध्यात्मिक ज्ञान तत्वदर्शी जनांकडचान *'प्रणिपातेन, परिप्रश्नेन सेवया'* संपादन करचें आसता. हे तरेन ज्ञान मेळोवनुं अर्थ आनी काम हे धर्म नियमांचे परिपालन मोक्षास्वातीर करचें आसता. धर्माचे आधारावयर अर्थ आनी कामोपभोग घेवचो गृहस्थाश्रमांतले कर्तव्य आसता. मागीर संसारांतले सर्व कर्म आनी इन्द्रियांचो मोह सोडनुं परमार्थाचे चिंतन, मनन आनी निधिध्यासन करचें वानप्रस्थांथलें लक्ष्य आसता. संन्यास आश्रमास्वातीर जेन्नां मनुष्य अधिकारी जाता तेन्नां झाडावयल्यान पिकिलें पान किंवा फल आपो-आप पडिले तरेन मनुष्य सर्व संबंध त्याग करनुं परमात्मांतु लीन जाता. *"अनाश्रितः कर्मफलं कार्यं कर्म करोति यः । स संन्यासी च योगी च न निरग्निर्न चाक्रियः ॥ यं संन्यासमिति प्राहुर्योगं तं विद्धि पाण्डव । न ह्यसंन्यस्तसङ्कल्पो योगी भवति कश्चन ॥"* (गीता.६.१-२). *"वेदेषु यज्ञेषु तपःसु चैव दानेषु यत्पुण्यफलं प्रदिष्टम् । अत्येति तत्सर्वमिदं विदित्वा योगी (साधक) परं स्थानमुपैति चाद्यम् ॥"* (गीता. ८.२८).

## (७७४). चतुरात्मा - कोणालें आत्मा चारी दिकान पसारलो आसा, तो.

परमात्मालें स्वरूप *"शरीरपुरुषश्छन्दःपुरुषो वेदपुरुषो महापुरुषः ।"* म्हण्णुं ऐतरेय आरण्कांतु नमूद जालिलें आसा. श्री शंकराचार्य हे श्ब्दाचो अर्थ *"रागद्वेषादिरहित्वात् चतुर आत्मा मनोऽस्येति, मनोबुद्ध्यहंकारचित्तास्यान्तःकरणचतुष्टयात्मकत्वाद्वा,, चतुरात्मा"* म्हण्णुं करताचि.

## (७७५). चतुर्भावः - कोण चार तरेन प्रभावित करता, तो.

*"सर्वं ह्येतद् ब्रह्म । अयमात्मा ब्रह्म । सोऽयमात्मा चतुष्पात् ॥"* मांडूक्योनिषद्भाष्यांतु श्री मध्वाचार्य म्हणताचि "पूर्णानंदज्ञानशक्तिस्वरूपं नित्यमव्ययम् । चतुर्धा सर्वभोक्तारं वंदे विष्णुं परं पदम् ॥" वैश्वानर, प्राज्ञ, सुषुप्ति आनी तुरीय हे परमात्माले चार प्रकट प्रभाव आसाचि. श्री शंकराचार्य हे शब्दाचो अर्थ *"धर्मार्थकाममोक्षाख्यपुरुषार्थचतुष्टयं भवति उत्पद्यतेऽस्मादिति चतुर्भावः"* म्हण्णुं करताचि.

## (७७६). चतुर्वेदवित् - जो चारि वेदांतल्यान जाणचांतु येता, तो.

*'साक्षात्कृतधर्माणाः'* - ऋषींनि परमात्मालो जो साक्षात्कार आपण्याले तपोप्रभावाक लागून घेतलो तोचि तांनि वेदांतु नमूद केलें. देकून परमात्मालें ज्ञान वेदांतल्यानचि मेळ्ता. *"वेदे रामायणे चैव पुराणे भारते तथा । अदावंते च मध्ये च विष्णुः सर्वत्र गीयते ॥"* वेदांतले ज्ञान गूढ आशिल्यान तें सामान्य मनुष्यांस्वातीर महाभारत, रामायण आनी पुराणांतल्यान समजायलें. भागवत पुराणांतु सांगिल्ले तरेन *"ब्राह्मणेष्वपि वेदज्ञो ह्यर्थज्ञोऽभ्यधिकस्ततः ॥ अर्थज्ञात् संशयच्छेत्ता ततः श्रेयान् स्वकर्मकृत् । मुक्तपङ्गस्ततो भूयानदोग्धा धर्ममात्मनः ॥ तस्मान्मय्यार्पिताशेषक्रियार्थात्मा निरन्तरः*

*मय्यर्पितात्मनः पुंसो मयि संन्यस्तकर्मतः ॥ न पश्यामि परं भूतमकर्तुः समदर्शनात् ॥ मनसैतानि भूतानि प्रणमेद् बहु मानयन् । ईश्वरो जीवकलया प्रविष्टो भगवानिति ॥"*

**(७७७). *एकपात्* - कोणें हें विश्व आपण्याले एक पावलान मापल्यां, तो.**

*"इदं विष्णुर्वि चक्रमे त्रेधा नि दधे पदम् । समूळ्हमस्य पांसुरे ॥"* (ऋग्वेद.१.२२.१७) सायणाचार्यानि हे मंत्रावयर भाष्य करताना स्पष्ट केल्या - *"विष्णुः त्रिविक्रमावतारी, इदम्-प्रतीयमानं सर्वं जगत् उद्दिश्य, विचक्रमे-विशेषेण क्रमणं कृतवान् । तदा त्रेधा-त्रिभिः प्रकारैः, पदं निदधे-स्वकीयं पादं प्रक्षिप्तवान् । अस्य-विष्णोः, पांसुरे-धूलियुक्ते पादस्थाने, समूळ्हम्-इदं सर्वं; जगत् सम्यक् अन्तर्भूतम् ।" "एकांशेन स्थितो जगत् ।"* परमात्मा आपण्याले ऐश्वर्याचे एक अंशान हें जगव्यापून आसा.

***समावर्तोऽनिवृतात्मा दुर्जयो दुरतिक्रमः ।***
***दुर्लभो दुर्गमो दुर्गो दुरावासो दुरारिहा ॥ ८३ ॥***

**(७७८). *समावर्तः* - कोणांले वर्तन विश्वांतले सर्वांविशय समभावनेन आसता, तो.**

विश्व निर्मिती नंतर अस्तित्वाविषय परमात्माक स्वंयचेयी विशय प्रेम किंवा द्वेश भावना आसना. *"समोऽहं सर्वभूतेषु न मे द्वेष्योऽस्ति न प्रियः ।"* तरी सुद्धां ताणें घालनुं दिल्लिले ऋत-धर्माचे नियमं पालन करनुं परामात्मालें कार्यांतु सहभाग आनी अनुकूल जे जन आसताचि तांगेले विषय आस्थाय आसचि साहजिक आसता. देकून *"ये भजन्ति तु मां भक्त्या मयी ते तेषु चाप्यहं ॥"* म्हण्णुं सद्वर्तनाविशय आसचि आपण्यालि निष्ठा श्री कृष्ण उर्क्ते करता (गीता.९.२९). देव म्हण्णुं अतिशय प्रेम आनी असुर म्हण्णुं अतिशय द्वेश परमात्मालागीं नासता. अज्ञानाक लागून जे तरेन धर्माचे विरुद्ध कर्म केल्लियान ताजें प्रायश्चित इन्द्राक घेवचें पडलें ते तरेन सत् ज्ञान आनी सदाचार पालन केल्लिले असुर वंशांतले प्रह्लादाक परमगतिबी प्राप्त जालि. परमात्माले दरबारांतु जन्म न्हंय, वर्तणूक महत्वाचि आसता. भगवंता विशय भक्ति आसचि म्हळ्यार भगवंताविशय आसचें आकर्शण, स्नेह आनी प्रेम ! हांका लागूनचि भगवंत आनी भक्तांलो संबंध धृढ जाता.

**(७७९). *अनिवृत्तात्मा* - जो विश्वांतले मूल आनी सनातन तत्वांपासून परत फिरना, तो.**

*"मयाध्यक्षेण प्रकृतिः सूयते सचराचरम् । हेतुनानेन कौन्तेय जगद्विपरीवर्तते ॥ . . . चातुर्वर्ण्यं मया सृष्टं गुणकर्मविभागशः । . . . सहयज्ञाः प्रजा सृष्ट्वा पुरोवाच प्रजापतिः । अनेन प्रसविष्यध्वमेष वोऽस्त्विष्टकामधुक् ॥ . . . कर्मणेव हि संसिद्धिमास्थिता जनकादयः । लोकसंग्रहमेवापि संपश्यन्कर्तुमर्हसि ॥ यद्यदाचरति श्रेष्ठस्तत्तदेवेतरो जनः । स यत्प्रमाणं कुरुते लोकस्तदनुवर्तते ॥ न मे पार्थास्ति कर्तव्यं त्रिषु लोकेषु किञ्चन । नानवाप्तमवाप्तव्यं वर्त एव च कर्मणि ॥"* हे तरेन आपण्यानचि घालनुं दिल्लिले सनातन धर्म नियमांपासून तो सतः परावृत जायतनासताना *"यदा यदा हि धर्मस्य ग्लानिर्भवति भारत । अभ्युत्थानमधर्मस्य तदात्मानं सृजाम्यहम् ॥"* ते हें आश्वासन दीवनुं मनुष्याक ताणें आपण्य धर्माचे रक्षण करचे स्वातीर आपण्यालि उत्तरदायित्व विसरना म्हण्णुं ताका 'अनिवृत्तात्मा' हे नांवे यथार्थ आसा.

**(७८०). दुर्जयः - कोणांवयर विजय प्राप्त करचें शक्य ना, तो.**

*"नियमोऽयं हरेर्यस्मान्नोल्लंघ्यः सर्वचेतनैः । सत्यसंकल्पतो विष्णुर्नान्यथा तु करिष्यति ॥"* ही भगवंतालि आज्ञा आशिल्यान सर्व चेतनजीवगणांपासून ताजे उल्लंघन करचें साध्य जायना. श्री मध्वाचार्यांनि गीतातात्पर्यांतु सांगिल्ले तरेन *"प्रधानश्च स्वतंत्रश्च तन्मूलमखिलं जगत् । तदाधारं विमुक्तौ च तदधीनं सदा स्थितम् ॥ स सूक्ष्मो व्यापकः पूर्णः तदीयमखिलं जगत् । तस्मात् तदीयः त्वमसि नैव सोऽसि कथंचन ॥"*

**(७८१). *दुरतिक्रमः* - कोणाक अतिक्रमण करनुं कोणींयी ताजे पेलतडेन वचूं शकनांचि, तो.**
**(७८२). *दुर्लभः* - जो अत्यंत परिश्रमान प्राप्त जाता, तो.**

(७८३). *दुर्गमः* - जो अत्यंत परिश्रमान जाणचांतु येता, तो.
(७८४). दुर्गः - जो अत्यंत परिश्रमान प्राप्त जावचो लक्ष्य आसा, तो.

*"न चक्षुषा गृह्यते नापि वाचा नान्यैर्देवैस्तपसा कर्मणा वा । ज्ञानप्रसादेन विशुद्धसत्वस्ततस्तु तं पश्यते निष्कलं ध्यायमानः ॥"* (मुण्डकोपनिषद).

(७८५). **दुरावासः - कोणांले परम स्थान अत्यंत परिश्रमान प्राप्त जाता, तो.**

*"नायमात्मा प्रवचनेन लभ्यो न मेधया न बहुना श्रुतेन । यमेवैष वृणुते तेन लभ्यः तस्यैष आत्मा विवृणुते तनूं स्वाम् । नायमात्मा बलहीनेन लभ्यो न च प्रमादत्तपसो वाऽप्यलिंगात् । एतैरुपायैर्यतते यस्तु विद्वांस्तस्यैष आत्मा विशते ब्रह्मधाम ॥"* (मुण्डकोपनिषद) जास्त उलयल्यान, जास्त विचार केलिल्यान, जास्त आयकलिल्यान तो प्राप्त जायना. कोणांवयर तो प्रसन्न जाता ताकाचि तो आपण्यालें यथार्थ स्वरूप दाखयता. श्रवण-मनन-ध्यान कोणें केलिलें ना, परमात्मालो उडगास कोणांक जायना, कोण तप करना तांका तो केन्नांयी मेळना. जे कोणालें आचरण ऋत-धर्मानुसार आसता, तांकाचि तो आपण्याले परम अधिष्ठान दाखयता.

(७८६). **दुरारिहा - जो दुष्ट वृत्तींक नाश करता, तो.**

साधुजनांले रक्षण आनी दुष्टजनांलें निर्मूलन करचें म्हळ्यार वास्तविक मनुष्याले अंतःकरणांतले सत्व गुणांक प्रेरित करचें आनी तामस गुणांक निर्मूलन करचें आसता. दर एक जीवाले योग्यतानुसार तांगेलो धर्म परिपूर्णतेंतु हाडचो भगवंतालो उद्देश आसा. *"शृण्वे वीर उग्रमुग्रं दमायन् अन्यमन्यमतिनेनीयमानः । ऐधमानद्विळुभयस्य राजा चोष्कूयते विश इन्द्रो मनुष्यान् ।"* - वीर आनी परमैश्वर्यशाली नारायण लोकांक उपद्रव दिवचे असुरांक दंड दिता, सद्भावनेचे सात्विक जीवांक सांत्वन करनुं संसाराचे पेलतडेन आशिले श्रेष्ठ पदाक पावयता. तो देव आनी असुरांलो नियामक आसा.

*शुभाङ्गो लोकसारङ्गः सुतन्तुस्तन्तुवर्धनः ।*
*इन्द्रकर्मा महाकर्मा कृतकर्मा कृतागमः ॥ ८४ ॥*

(७८७). **शुभाङ्गः - जो शुभ सरूप शरीराचो आसा, तो.**

भगवंताले सर्व अंगांग शुभगुणांनि शोभताचि. श्री मध्वाचार्यांनि सांगिल्ले तरेन *"स्वयं स्वरूपवान् यस्मात् देहवांश्चोच्यते ततः । शिरश्चरणबाह्वादिः सुखज्ञानादिरूपकः । . . . गुणरूपोऽपि भगवान् गुणभुक् च सदा श्रुतः । मत्स्यकूर्मादिरूपाणां गुणानां कर्मणामपि । तथैवावयवानां च भेदं पश्यति यः क्वचित् । भेदाभेदौ च यः पश्येत् स याति तम एव तु ॥"* परमात्मा सर्व शुभ गुणांनि परिपूर्ण आशिल्यान तागेले सर्व अवयवं सुख आनी ज्ञान सादृश्य आसाचि. देकून तागेले विंग-विंगड अवतारांतु किंवा अवयवांतु भेद मानचें तामस जगांतु म्हळ्यार अज्ञानाचे अंधःकारांतु वच्चें तरेन आसा.

(७८८). **लोकसारङ्गः - कोण तीन लोकांतु रसरूपान पसरिलो आसा, तो.**

संसारांतु जनांक तांग-तांगेले कार्यांतु प्रेरित करचि शक्ति भगवंतालिचि आसून ती तीन लोकांतु पसरिली आसा. उषस्त चाक्रायणाले *"यत् साक्षादपरोक्षाद् ब्रह्म य आत्मा सर्वांतरस्तं मे व्याचक्ष्वेति ।"* हे प्रश्नयाक याज्ञवल्क्य उत्तर दिता, *"एष ते आत्मा सर्वांतरः । . . . यः प्रणेन प्राणिति स ते आत्मा सर्वांतरः । योऽपानेनापानिति स ते आत्मा सर्वांतरः । यो व्यानेन व्यानिति स ते आत्मा सर्वांतरः । य उदानेनोदानिति स ते आत्मा सर्वांतरः । एष ते आत्मा सर्वांतरः ।"* (बृहदारण्यकोपनिषद) प्राण, अपान, व्यान, उदान आनी समान हे मुख्यप्राणाचे पंच स्वरूपान परमात्मा शरीरांतले प्रत्येक भागाक रस प्रवाहित करनुं प्रेरित करता.

**(७८९). सुतन्तुः - जो संसारांतु वस्त्रांतले उभें आनी आडवे सूतातरेन पसरला, तो.**

सृष्टी निर्माण केले नंतर तांतूत प्रकृती तत्वाचे मुखांतर परामात्मा सर्व चेतन-अचेतन जीवांतु सूता तरेन उभें-आडवें पसरिलो आसता. *"वेनस् तत् पश्यन् निहितं गुहा सद् यत्र विश्वं भवत्येकनीडम् । तस्मिन्निदं सं च वि चैति सर्वं सऽओतः प्रोतश्च विभुः प्रजासु ॥"* म्हण्णुं यजुर्वेदांतु सांगिल्लें आसा. *"स यथा ऊर्णनाभिः तन्तुना उच्चरेत् यथा अग्नेः क्षुद्राः विस्फुलिंगाः व्युच्चरन्ति एवमेवास्मादात्मनः सर्वे प्राणाः सर्वे लोकाः सर्वे देवाः सर्वाणि भूतानि व्युचरन्ति । तस्योपनिषत् सत्यस्य सत्यमिति ।"* म्हण्णुं बृहदारण्यकोपनिषदांतु सांगल्या.

**(७९०). तन्तुवर्धनः - जो संसारांतले संबंध वाढयता, तो.**

*"अयं रोचयद् अरुणो रुचानो ३ऽयं वासयद् व्यु १ तेन पूर्विः ॥ अयम ईयत ऋतयुग्भिर् अश्वैः स्वर्विदा नाभिना चर्षणिप्राः ॥"* (ऋग्वेद.६.३९.४) - परमात्मा संसारांतु जें प्रकाशित जायना तें प्रकाशित करता, उदयोन्मुख शक्तींक ऋत-धर्म नियमांन प्रेरित करनुं गतिशील करता आनी जनांक तांग-तांगेले कार्यक्षेत्रांतु सुख दिता.

**(७९१). इन्द्रकर्मा - जो इन्द्राले श्रेष्ठ कर्तुत्वांतु सहाय्यक आसा, तो.**

ऋग्वेदांतु (१.२२.१९) *"विष्णोः कर्माणि पश्यते तयो व्रतानि पस्पशे । इन्द्रस्य युज्यः सखा ॥"* मनाचो अभिमानी दैवत जावनुं आशिले इन्द्राक श्री विष्णु सर्व काल मदत करत आशिल्यान इन्द्र आनी विष्णुलें सख्य प्रसिद्ध आसा. विष्णुली ही मदत म्हळ्यार परमात्मान मनुष्याले मनावयर प्रकाश घालनुं तागेले असुर प्रवृत्तीवयर प्रतिबंधन घालचें तशें आसा.

**(७९२). महाकर्मा - जो श्रेष्ठ कर्म करता, तो.**

विष्णुलें महान् कर्तुत्वाचो उल्लेख ऋग्वेदांतु परत परत करचांतु आयिलो आसून ताजें ध्यान, चिंतन, मनन आनी संकीर्तन करचाक सांगिल्लें आसा. *"विष्णोर्नु कं वीर्याणि प्र वोचं यः पार्थिवानि विममे रजांसि । यो अस्कभायदुत्तरं सधस्थं विचक्रमाणस्त्रेधोरुगाय ॥"* आनी *"आस्य जानन्तो नाम चिद्विवक्तन महस्ते विष्णो सुमतिं भजामहे ॥"* (१.१५४.१ ; १.१५६.३)

**(७९३). कृतकर्मा - कोणांले कर्म, कर्म करचे खातीरचि आसता, तो.**

*"न मे पार्थास्ति कर्तव्यं त्रिषु लोकेषु किञ्चन । नानवाप्तमवाप्तव्यं वर्त एव च कर्मणि ॥ यदि ह्यहं न वर्तेयं जातु कर्मण्यतन्द्रितः । मम वर्त्मानुवर्तन्ते मनुष्याः पार्थ सर्वशः ॥ उत्सीदेयुरिमे लोका न कुर्यां कर्म चेदहम् । सङ्करस्य च कर्ता स्यामुपहन्यामिमाः प्रजाः ॥"* म्हण्णुं श्री कृष्ण गीतेंतु (३.२२-२४) उद्गार काडता.

**(७९४). कृतागमः - जो वेद मुखांतर जाणचांतु येता, तो.**

वेद हे ऋषी-मुनींले शुद्ध अंतःकरणांतु प्रतिबिंबित जाल्लिें अपरोक्ष ब्रह्मज्ञान जावनुं आसा. सर्व साधारण मनुष्यांक असलें ज्ञान साध्य जायनाशिल्यान तांका भगवंताले दर्शन वेदमुखांतरचि प्राप्त जाता. देकून वेद हे ज्ञानाचे प्रमाण ग्रंथ जावनुं आसाचि.

श्री मध्वाचार्य मुण्डकोपनिषद्भाष्यांतु सांगताचि *"ऋगाद्या अपरा विद्या यदा विष्णोर्न वाचकाः । ता एव परमा विद्या यदा विष्णोस्तु वाचकाः ॥"* वेदाचो बाह्यार्थ आनी गुढार्थ आसता. कर्मकाण्डाचे यम-नियमांचे मुखांतर ज्ञान-साधनंचि सुरवात जावनुं वेदांचें श्रवण, चिंतन, मनन केल्लियान तांतूतलो गूढार्थ समजता. कर्मकांण्ड आनी

ज्ञानकाण्ड हे दोन्नीं एकमेकांक पूरक आसताचि. श्री मध्वाचार्यांनि स्पश्ट केलिले तरेन *"अतो अपरोक्षज्ञानादेव मोक्षः । कर्म तु तत्साधनम् ॥"* (गीताभाष्य) मोक्ष अपरोक्ष ज्ञान मेळिल्यानचि साध्य आसा ; ते ज्ञानास्वातीर कर्म करचें हें साधन आसा. *"परीक्ष्य लोकान् कर्मचितान् ब्राह्मणो निर्वेदमायान्नास्त्यकृतः कृतेन । तद्विज्ञानार्थं स गुरुमेवाभिगच्छेत् समित्पाणिः श्रोत्रियं ब्रह्मनिष्ठम् ॥"* - काम्य कर्मांचे मुरांतर मेळचे सर्व फलांचो सारासार विचार करनुं ब्रह्मज्ञानाचे साधक ज्ञानास्वातीर हातांतु समिधा घेवनुं ब्रह्मनिष्ठ श्रुतिसंपन्न गुरुलो आश्रय घेता, म्हण्णुं मुण्डकोपनिषद सांगता.

*उद्भवः सुन्दरः सुन्दो रत्ननाभः सुलोचनः ।*
*अर्को वाजसनः श्रृङ्गी जयन्तः सर्वविज्जयी ॥ ८५ ॥*

### (७९५). उद्भवः - जो सर्व विश्वाक निर्माण करता, तो.

विश्वांतले प्रत्येक वस्तूक निर्माण करनुं तातूं सदा काल चैतन्य उत्क्रमण करचें कार्य परमात्मालें आशिल्यान ताका *उद्भवः* म्हण्णुं संबोधन करताचि.

### (७९६). सुन्दरः - कोणांले रूप आकर्शक आसा, तो.

भगवंताले रूप अत्यंत आकर्शक आसून आपण्याले दर्शनान भक्तांलें तन, मन आनी अंतःकरण आनंदान परिपूर्ण जाता. देकून ताका कृष्ण हें नांव पडलें. जेन्नां श्री कृष्णान रासलीला खेळचे स्वातीर आपण्यलि मुरळी बाजयलि तेन्नां तो सुमधुर नाद आयकून सर्व गोपी यमुना तीरावयर जमले - *"निषम्य गीतं तदनङ्गवर्धनं व्रजस्त्रियः कृष्णगृहीतमानसाः । आजग्मुरन्योन्यमलक्षितोद्यमाः स यत्र कान्तो जवलोलकुण्डलाः ॥"* म्हण्णुं भागवत पुराणांतु वर्णन आसा.

### (७९७). सुन्दः - कोणांले दृष्टींतु कारुण्य आसा, तो.

विश्वाचि निर्मिती ही भगवंतालि एक लीला आसा. तरी पुण ते निर्मितींतु विचारांचि चंचलता किंवा अहेतुका नासता. निर्माण कार्य सहेतुक आनी मतितार्थ कार्य जावनुं आसा. सृष्टी निर्मितींतले सर्व वस्तूंतु परमात्माले शक्तिचे अस्तित्व आसा. - *"भूतैः निजाश्रितजनस्य हि सृज्यसृष्टावीक्ष्वा"* - आपण्याल्यांतु आश्रय करनुं अशिले सजीवसमूहाले कल्याणास्वातीर तो सृष्टी निर्माण करता. स्वंय स्वंय धर्माक अवकळ आयिली दिसून येता आनी अधर्माचो व्यवहार चल्ता थंय थंय परमात्मा अवतार घेवनुं साधु जनांले रक्षण आनी दुष्ट जनांले निर्दालन करता. भक्तालें उत्क्रमण आनी उत्थानास्वातीर तो मनुष्यरूपान जन्म घेता - *"भक्तार्थं सगुणो जातो निराकारोऽपि चिन्मयः । . . . सकलभुवनमध्ये निर्धनास्तेऽपि धन्या निवसति हृदि येषां श्रीहरिर्भक्तिरेका । हरिरपि निजलोकं सर्वथातो विहाय प्रविशति हृदि तेषां भक्तिसूत्रोनुबद्धः ॥"* - धन्य ते जन जे निर्धन आसूनबी तांगेले हृदयांतु श्री हरिले विशय भक्ति आसता. कारण तेन्नां श्री हरि सुद्धां आपण्याले वैकुंठ सोडनुं भक्तिचे बंधनांतु निवास करता.

### (७९८). *रत्ननाभः* - कोणांलि बेंबली रत्ना तरेन शोभता, तो.

भगवंताली आभरणं प्राकृतिक आनी स्थूल नासताना दैवी आनी सूक्ष्म आसताचि. वास्तविक तांगेले नाभिप्रदेशांतल्यान चतुर्मुख ब्रह्म आनी ताका लागून विश्व आनी ऐश्वर्याचो उगम जालिल्यान ती नाभि रत्नाचें भाण्डार आसा. *"यद्यद्विभूतिमत्सत्वं श्रीमदूर्जितमेव वा । तत्तदेवावगच्छ त्वं मम तेजोंऽशसम्भवम् ॥"* (गीता.१०.४१)

### (७९९). *सुलोचनः* - कोणांले दोळे सुंदर आसाचि, तो.

परमात्माले काळजांतलें प्रेम, दया आनी कारुण्यान शोभचे तागेले दोळ्यांचो रंग तांबूस आसता. जे मनुष्यावयर तागेली दृष्टी पडता तागेले जीवनांतु अरुणोदय जाता आनी तागेलें जीवन सूर्य उगवल्यान जावचि धन्यता आनी प्रगति पथावयरचि वाटचाल सरु जाता.

**(८००). *अर्कः* - जो सूर्यातरेन तेजस्वी आनी प्रभावशाली आसा, तो.**

भगवंताक सूर्याचि उपमा दिवचांतु येता कारण जे तरेन आकाशांतु उदय पाविलो सूर्य संसारांतलो काळोख नाश करता ते तरेन भगवंत साधकाले काळजांतु उदयोन्मुख जावनुं तागेले जीवनांतली राजसिक-तामसिक अज्ञान नााश करनुं थंय सात्विक सद्भावनेचो प्रकाश फैलायता.

**(८०१). *वाजसनः* - जो आत्माक प्रकाश दिता, तो.**

मनुष्याले अंतःकरणांतु परमात्मालें प्रकाश पसरलो कीं तागेलें अज्ञान ना जावनुं थंय आध्यात्मिक लक्ष्य स्पश्ट जाता.

**(८०२). *श्रृङ्गी* - जो शिंग धारण केलिलो मत्स्यावतार आसा, तो.**

शिंग हें शक्तिचें प्रतीक जावनुं आसा. जेन्नां विश्वाचो प्रलय समय लागीं येता तेन्नां परमात्मा व्होड मासळेचे रूप घेवनुं आपण्याले शिंगाक दोरी बांदनुं वैवस्वत मनुक संरक्षण दिता. मासळी ही सागरांतु निरंतर विहार करचे शक्तिचे प्रतीक आसून जेन्नां पृथ्वी वयले सर्व जलमय जात आसता तेन्नां केवल मासळीचि अनिबन्ध आसता. योग शास्त्रांतु मासळीचचि उपमा जीव आनी कुंडलिनी शक्तीक दिवचांतु येता, जी नाडींचे प्रवाहांतु संचार करता.

**(८०३). *जयन्तः* - जो केन्नांयी विजयी आसता, तो.**

परमात्मा दुष्ट जनांवयर सदा विजय मेळ्ळेवनुं साधुजनांले संरक्षण आनी धर्म संस्थापन करता. वास्तविक दर एक जनांले मनांतु सुर (दैवी) आनी असुर (राक्षसी) प्रवृत्ती अस्तित्वांतु आसता. मनांतले दुर्विचार आनी कृतींतले दुराचार नाश करनुं थंय सद्विचाराचे बींय रोवचें हें परमात्माले धर्मसंस्थापनेचे मूल लक्ष्य आसता.

**(८०४). *सर्वविज्जयी* - जो सर्वांवयर विजय पावता, तो.**

सूर्य आनी आंधःकार जे तरेन एकचि जाग्यार आसचे संभव ना, तेचि तरेन भगवान आनी पराभव एकचि श्वासान उच्चारचाक जायना. सूर्याचो प्रकाश पसरलो कीं काळोख ना जाता आनी परमात्मालें अपरोक्षज्ञान जालें कीं संसारांतल्यान मोक्ष मेळ्ता. भग हे शब्दांतूचि ऐश्वर्य, शौर्य आनी वीर्याचो आविर्भाव आसा. जो संसारांतले अज्ञान निर्दालन करता तोचि जनार्दन आसा.

*सुवर्णबिन्दुरक्षोभ्यः सर्ववागीश्वरेश्वरः ।*
*महाह्रदो महागर्तो महाभूतो महानिधिः ॥ ८६ ॥*

**(८०५). *सुवर्णबिन्दुः* - जो भांगरातरेन तेजाळ बिन्दु आसा, तो.**

जेन्नां सर्व विश्व लय पावता आनी सर्व दृष्य जीव-जगत् परमात्मांतु परत लीन जाता तेन्नां श्रीमन्नारायण शेषरूपान किंवा बिन्दु रूपान शून्यांतु वावुरता. हे शेष, बिंदु किंवा शून्य स्वरूपांतु परमात्माले सर्व षड्गुणं समाविष्ट जालिलीं आसताचि. विश्व लय आनी निर्माण जावचे मध्यांतरांतु जेन्नां परमात्मा शेष, बिंदु किंवा शून्य रूपान आसता म्हणचांतु येता तेन्नां तागेले अस्तित्व नाश जाता अथवा तें आसना म्हण्णुं न्हंय तर ते संधिसमयांतु तागेले शिवाय विंगड कोणियी आसनासताना केवल तो आपण्याले अव्यक्त आनी अमूर्त रूपान आसता म्हण्णुं समजका.

केवल तो आपण्याले स्वतःचे प्रकाशांतु आनी ज्ञानांतु योगनिद्रेंतु आसता. *"अथ य एषोऽन्तरादित्ये हिरण्मयः पुरुषो दृश्यते हिरण्यश्मश्रुः हिरण्यकेशः आ प्रणखात् सर्व एव सुवर्णः । तस्य यथा कप्यासं पुण्डरीकं एवमक्षिणी । तस्य*

*उदिती नाम । स एष सर्वेभ्यः पाप्मभ्य उदीतः । उदेति ह वै सर्वेभ्यः पाप्मभ्यो य एवं वेद ।"* - तेन्नां सूर्यांतर्गत दिसचे ते भांगराचे पुरुषाले अश्रु भांगराचे, केस भांगराचे, नांगटाचे टोकापर्यंत सर्व कांय भांगराचे. भांगराचें म्हळ्यार ऐश्वर्यवान्, प्रतिभावान् आसून तो महानाम पुरुषोत्तम आसता (छांदोग्योपनिषद).

## (८०६). *अक्षोभ्यः* - कोणालें मन बेचैन जायना, तो.

जेन्नां परमात्मा सुवर्णबिन्दुरूपान योगनिद्रेंतु आसता, तेन्नां तो केवल ॐकार आनी सर्व चेतन-अचेतन सृष्टी ॐकाररूपान स्वात्मरूपान केन्द्रित आसता. विश्वाचे निमाथण कार्य परमात्मालें संकल्पाक लागून आशिल्यान जेन्नां तो योगनिद्रंतु आसता, तेन्नां तागेले संकल्पबी स्वकेंद्रित आसताचि.

योगीचि व्याख्या करताना श्री कृष्ण सांगता *"ज्ञानविज्ञानतृप्तात्मा कूटस्थो विजितेन्द्रियः । युक्तः इत्युच्यत योगी समलोष्टाश्मकाञ्चनः ।। सुहृन्मित्रार्युदासीनमध्यस्थद्वेष्यबन्धुषु । साधुष्वपि च पापेषु समबुद्धिर्विशिष्यते ।।"* (गीता.६.८-९).

## (८०७). *सर्ववागीश्वरेश्वरः* - सर्व वाणीचो परमेश्वर आसा, तो.

जेन्नां पयलावयलें परमात्मालें मनांतु संकल्प जागें जाता तेन्नां तागेले शून्य-बिंदु रूपांतलो ॐकार स्फुरण पावता आनी तांतूत समाविश्ट आशिली श्रीशक्ति वाक् रूपान प्रगट जाता. तीचि वाक् अंभ्रणि म्हण्णुं वेदांतु प्रख्यात् आसा. वाक् अंभ्रणीलो उगमस्थान आशिल्यान तो वागीश्वर आसा - *"अहं सुवे पितरमस्य मूर्धन्मम योनिरप्स्व ऽन्तः समुद्रे ।"* (ऋग्वेद).

## (८०८). *महाह्रदः* - जो विशाल हृदयाचो आसा, तो.

विश्वाचो अंत जाले नंतर परत निर्माण कार्य करचांतु परमात्मालो कांयी निश्चित हेतु नासता. श्रीमन्नारायण अनंत सागरांतु सात्मसुखी स्वात्मरत जावनुं योगनिद्रेंतु आसता. फुलाचो सुगंध फुलाचो स्वभाव पसरिले तरेन, सूर्याचो प्रकाश सूर्याले तेजाचो प्रभाव पसरिले तरेन विश्वाचे निर्माण कार्य परमात्माले स्वभावाक विश्वनिर्मिती केवल स्वानंद प्रगटरूप करता. *"न प्रयोजनवत्वात् ।"* - प्रयोजनेखातीर न्हंय तें केवल स्वात्म सुखाखातीर आशिलें - *"लोकवत्तु लीलाकैवल्यम् ।"* स्वभाव प्रचुर आसता म्हण्णुं ब्रह्मसूत्रांतु (२.१.३२-३३) सांगचांतु आयल्यां.

## (८०९). *महागर्तः* - जो महासागरातरेन खोल आसा, तो.

परमात्मा महान् सागरातरेन अथांग आनी सखोल आसा. अमूल्य रत्नमण्यांचे भाण्डार आसा. जे तरेन धर्तरेवयले सर्व नदींतले उदाक अखेरीक महासागराकचि पावता ते तरेन संसारांतले सर्व जीवांले सर्व नमस्कार अखेरीक श्रीमन्नारायणाकचि पावताचि. कारण तोचि जीव-जगत्चे अंतिम आश्रय स्थान जावनुं आता. वास्तविक संसारसागर परमात्मान पसरायिलें एक मायाजाल आसा. *'मम माया दुरत्यया'* म्हण्णुं भगवंताले वचन आसा. *"ईश्वरः सर्वभूतानां हृद्देशेऽर्जुन तिष्ठति । भ्रामयन् सर्वभूतानि यन्त्रारूढानि मायया ।।"* देकून *"तमेव शरणं गच्छ सर्वभावेन भारत । तत्प्रसादात्परां शान्तिंस्थानं प्राप्यसि शाश्वतम् ।।"* (गीता. १८.६१-६२). हे संसाररूपी मायाजलांतल्यान सुटकारो पावनुं मोक्षाचो हव्यास धरचो साधक परामात्माक अत्यंत प्रिय आसा.

## (८१०). *महाभूतः* - जो जीव-जगतांतु प्राकृतिक विभूतीन सर्जनशील आसा, तो.

पार्थिव आनी मर्त्य जीव हे परमात्मालेंचि अंश आशिल्यान भूत - परमात्मापासून जालिलो - म्हणचांतु येता. आनी ताका लागून परमात्मा महाभूत आसा. भगवद्गीतेचे सातवे अध्यायांतु श्री कृष्ण आपण्यालें णव प्रकाराचि ईश्वरी प्रकृतीचें वर्णन करता. *"भूमिरापोऽनलोवायुः खं मनो बुद्धिरेव च । अहंकार इतीयं मे भिन्ना प्रकृतिरष्टधा ।। अपरेयमितस्त्यां प्रकृतिं विद्धि मे पराम् । जीवभूतां महाबाहो ययेदं धार्यते जगत् ।। एतद्योनीति भूतानि सर्वाणीत्युपधारय । अहं कृत्स्नस्य जगतः प्रभवः प्रलतस्तथा ।। मत्तः परतरं नान्यत्किंचिदस्ति धनंजय । मयी सर्वमिदं प्रोतं सूत्रे मणिगणा इव ।।"* (गीता.७.४-७)

मुखारसरनुं गीतेचे तेरावे अध्यायांतु भगवान परत सांगता, *". . . एतत्क्षेत्रं समासेन सविकारमुदाहृतम् । . . . सर्वेन्द्रियगुणाभासं सर्वेन्द्रियविवर्जितम् । असक्तं सर्वभृच्चैव निर्गुणं गुणभोक्तृ च ॥ बहिरन्तश्च भूतानामचरं चरमेव च । सूक्ष्मत्वात्तदविज्ञेयं दूरस्थं चान्तिके च तत् ॥ अविभक्तं च भूतेषु विभक्तमिव च स्थितम् । भूतभर्तृ च तज्ज्ञेयं ग्रसिष्णु प्रभविष्णु च ॥"* (१३.१२-१७).

(८११). *महानिधिः* - जो सर्व विश्वाचे निधान जावनुं आसा, तो.

सर्व विश्वाचो निर्माता, नियंता आनी निधान परमात्माचि आसा. तो एकचि स्वतंत्र आसून आनी विगंड सर्व अ-स्वतंत्र म्हळ्यार तागेले वयर अवलंबून आसाचि. सृष्टी सुरवात जावचे पयलें परमात्मा शेष, बिन्दु किंवा शून्य आसून, सृष्टीनिर्माण जाले नंतर तोचि चैतन्यावयर सर्वथा अवलंबून अशिले जीव-जगताक चैतन्य प्रदान करनुं तांगेल्यांतु परिवर्तन, प्रशासन आनी परमनिधान जावनुं आसता. ते चैतन्य सागरांतूचि साधकाक आपण्याले आध्यात्मिक स्रोत आनी परमानंदाचे अलौकिक रत्नभाण्डार सोदचें आसता.

*कुमुदः कुन्दरः कुन्दः पर्जन्यः पावनोऽनिलः ।*
*अमृतांशोऽमृतवपुः सर्वशः सर्वतोमुखः ॥ ८७ ॥*

(८१२). *कुमुदः* - जो सर्वांक आनंद दिता, तो.

'*कु*' म्हळ्यार पृथ्वी. *"कुम् पृथिवीम् भूमीं वा मोदयति ।"* परमात्मा आनंदरूपी आशिल्यान आपण्याले स्वभावाक लागून तो धर्तरेक जलधारिणी, सस्यशालिनी आनी सुमधुरभाषिणी करता. कुमुद म्हळ्यार धव्वें कमल जें रात्रि मात्र फुल्ता. जेन्नां मनावयर अज्ञानाचो अंधःकार पसरिलो आसता तेन्नां अंतःकरणांतु निवास करनुं अशिलो परमात्मा आपण्यालें तेज थंय प्रकाशिता. ताका लागून मनुष्याले शरीरांतले जड तत्व शुद्ध जावनुं जीवालें जीवनांतु संस्कृतीचे अविष्कार जाताचि आनी अखेरीक तागेले साधन पथावयर सत्याचो अनुभव जाता.

(८१३). कुन्दरः - जो कुन्द कळ्यातरेन शुद्ध सुवास पसरायता.

*"ब्रह्मविदाप्नोति परं । तदेषाऽभ्युक्ता । सत्यं ज्ञानमनंतं ब्रह्म । तो वेद निहितं गुहायां परमे व्योमन् । सोऽश्नुते सर्वान् कामान् सह ब्रह्मणा विपश्चेति ॥"* (तैत्तिरीयोपनिषद). जो परब्रह्माक जाणता, तो परब्रह्माले सान्निध्य पावता. काळजांतले अंतराकाशांतु सूक्ष्म स्थान सत्य, ज्ञान, आनंद आनी अनंतस्वरूपी परब्रह्माक जो जाणता आनी तागेले कृपेन सर्व सुख आनी भोग अनुभवता.

(८१४). *कुन्दः* - कोणालें शरीर कुंदकळ्यातरेन कोमल आसा, तो.

परमात्मा गुणातीत आसा, म्हळ्यार तो सत्व-रज-तम गुणांनि प्रभावित जायना. देकून तो स्फटिकातरेन स्वच्छ आनी शुभ्र आसा. अविद्या, अस्मिता, राग, द्वेष आनी अभिनिवेश हे पांच तरेचे क्लेशांचो प्रभाव परमात्मावयर जायना. वास्तविक अज्ञानाक लागून मनुष्याले मानस कलुशित जाता. अस्मिता तागेले जड शरीरांतु अहंकार उत्पन्न जाता. राग-अनुराग वासना निर्माण करता; द्वेशाक लागून मेळिले सुखांतु असंतोष आनी विघ्नांक अवकाश मेळ्ता. आत्मनिवेशाचे भय मनुष्याक आपण्याले भौतिक शरीराचि अभिलाषा निर्माण करता. हे सर्व क्लेशांक लागून मनुष्याले मनांतु सुखाविषय अपेक्षा आनी दुःखाविषय अनास्था निर्माण जाता. फलाचि आसक्ति वाढनुं तो काम्य कर्म करचाक प्रवृत्त जाता. असले कर्मांपासून जन्म-मरणाचे कालचक्र चल्ता. हाकाचि मोह-मायाग्रस्त संसार म्हण्णुं संबोधन करताचि.

(८१५). *पर्जन्यः* - जो पावसातरेन निर्मल अनुग्रहाचो वर्षाव करता, तो.
(८१६). *पावनः* - जो अग्नितरेन जीवन पावन आनी पवित्र करता, तो.
(८१७). *अनिलः* - जो वायुतरेन शुद्ध प्राणशक्ति शरीरांतु संचारयता, तो.

एकामागशी एक आयिले हे तीन नावांचो अर्थ मेळनुं करका. ऋषी क्रान्तदर्शी कवी आशिल्यान परमात्मालें वर्णन काव्यात्मक संकेतान जाता. करुणामय परमात्मा आपण्यालो अनुग्रहाचो पावूस मनुष्यावयर वर्षाव करनुं तागेले

शरीरान इन्द्रियासक्त शरीरावयर जाल्लिलीं पापं धूंवनु काडता. आनी पावकः - अग्नी तेजान तागेलें शरीर भांगरेन पवित्र आनी पावन करता. *अनिलः* - शुद्ध प्राणवायून तागेले शरीरांतले जीवतत्व उर्ध्वदिशेन प्रेरित करनुं अविनाशी ज्ञान प्रदान करता.

जीवनाचें ध्येय आनी लक्ष्य अपरोक्षज्ञान प्राप्त करचें आसता. संसारांतु आकर्शित करचें पृथ्वी-तत्वाचे बन्धन तोडनुं तागेले दृष्टी उर्ध्वदिशेन लक्षित करचे स्वातीर, दिशाहीन आनी अव्याहत व्हांवचे जल-तत्वाक परमात्मादिकान प्रवाहित करचे स्वातीर, सुप्तावस्थेंतु आशिलें अग्नि-तत्वाक चैतन्य दीवनुं क्रियाशील करचे स्वातीर, वासनासक्त जाल्लिलें वायु-तत्वाक शुद्ध, प्रवृत्त आनी प्रगतिशील करचे स्वातीर श्री विष्णु सहस्रनामातसलें भक्तिशास्त्रांतले शस्त्र श्रवण, संकीर्तन, मनन आनी ध्यान करचांतु उपयोजित जाता. ताका लागून मनुष्याक संसाराचें आकर्शण ना जावनुं तागेले मनाचे स्थैर्य वाढता; प्रज्ञा जागी जावनुं आत्मबल वाढता आनी सर्वांगी जीवन ज्ञानान परिपक्व जाता.

*"आपो मा तत्र नयतु अमृतं मा उपतिष्ठतु ।"*
*"अग्निर्मा तत्र नयतु अग्निर्मेधा दधातु मे ।"*
*"वायुर्मा तत्र नयतु वायुः प्राणान् ददातु मे ।"*

ईशोपनिषदांतु सांगिल्ले तरेन *"वायुरनिलममृतमथेदं भस्मान्तं शरीरम् ।"*

(८१८). *अमृतांशः* - जो अमरत्वाचे अंशरूप प्रदान करता, तो.
(८१९) *अमृतवपुः* - कोणालें स्वरूप अमृतमय आसा, तो.

परमात्मा स्वतः अनदि आनी अनंत आसा. *"अहमात्मा गुडाकेश सर्वभूताशयस्थितः । अहमादिश्च मध्यं च भूतानामन्त एव च ।।"* (गीता.१०.२०). वास्तविक तागेलें रूपचि अमृतमय आसा. तो स्वतः अमरत्वाचे स्वरूप आशिल्यान तागेले लागीं आयिले सर्व अमर जाताचि.

(८२०). *सर्वज्ञः* - जो सर्व कांय जाणता, तो.
(८२१). *सर्वतोमुखः* - कोणालें ज्ञान सर्वव्यापक आसा, तो.

*"यः सर्वज्ञः सर्ववित्"* (मुण्डकोपनिषद) - तो सर्वज्ञानी आसून सर्वव्यापकबी आसा. *"अनेकबाहूदरवक्त्रनेत्रं पश्यामि त्वां सर्वतोऽनन्तरूपम् । नान्तं न मध्यं न पुनसातवादिं पश्यामि विश्वेश्वर विश्वरूप ।।"* म्हण्णुं अर्जुन वर्णन करता (गीता.११.१६).

*सुलभः सुव्रतः सिद्धः शत्रुजित् शत्रुतापनः ।*
*यग्रोधोदुम्बरोऽश्वत्थश्चाणूरान्द्रनिषूदनः ।। ८८ ।।*

(८२२). सुलभः - जो भक्तांक सहज रीतीन प्राप्त जाता, तो.

*"सततं कीर्तयन्तो मां यतन्तश्च दृढव्रताः । नमस्यन्तश्च मां भक्त्या नित्ययुक्ताउपासते ।। . . . येऽप्यन्यदेवता भक्ता यजन्ते श्रद्धयान्विताः । तेऽपि मामेव कौन्तेय यजन्त्यविधिपूर्वकम् ।। . . . पत्रं पुष्पं फलं तोयं यो मे भक्त्या प्रयच्छति । तदहं भक्त्युपहृमश्नामि प्रयतात्मनः ।। . . . क्षिप्रं भवति धर्मात्मा शश्वच्छान्तिं निगच्छति । कौन्तेय प्रतिजानीहि न मे भक्तः प्रणश्यति ।। . . . मन्मना भव मद्भक्तो मद्याजी मां नमस्कुरु । मामेवैष्यसि युक्त्वैवमात्मानं मत्परायणः ।।"* म्हण्णुं गीतेंतु (९.१४; ९.२३; ९.२६; ९.३१; ९.३४) आश्वासन दिवचांतु आयल्यां. *"नाहं वसामि वैकुंठे योगिनां हृदये च । मद्भक्ता यत्र गायन्ति तत्र तिष्ठामि नारद ।"* भागवत पुराणांतलो हो आनी *"श्रवणं कीर्तनं विष्णोः स्मरणं पादसेवनम् । अर्चनं वंदनं दास्यं सख्यं आत्मनिवेदम् ।।"* भागवत पुराणांतलो हो उल्लेख प्रख्यात आसा. *"व्याधस्याचरणं ध्रुवस्य च वयो विद्या गजेन्द्रस्य का । का जातिर् विदुरस्य यादवपतेर उग्रस्य किं पौरुषम् ।। कुब्जायाः कमनीयरूपमधिकं किं तत् सुदामो धनम् । भक्त्या तुष्यन्ति केवलं न तु गुणैः भक्तिप्रियो माधवः ।।"* असले वक्तव्याक

लागून भगवद्भक्ति सारक्यो बिंगड सुलभ मार्ग कलियुगांतु स्वंयचोयी ना. देकून भागवत पुराणांतु परत निश्चयान सांगल्या *"सत्यादित्रियुगे बोधवैराग्यौ मुक्तिसाधनम् । कलौ तु केवला भक्तिर्ब्रह्मसायुज्यकारिणी ॥"*

(८२३). *सुव्रतः* - कोणांली संकल्पं शुभनियमबद्ध आसताचि, तो.

विश्व निर्माण केले नंतर पुरुषयज्ञांतु परमात्मान धर्मानियमांचि प्रथा घालनुं दिलि. ताका लागून ऋतांचे नियमन जाता. देकून तो सत्यसंकल्पाचो आनी धर्माचो आधार, मूल स्वरूप आसा. हे तरेचे व्रत निर्धार करनुं ताजे नियमन परमात्मा करत आशिल्यान तो सुव्रत आसता.

छांदोग्योपनिषदांतु हे व्रतांचे पालन संसारांतु करचो आग्रह केल्लिो आसा. श्री विष्णु परमात्मा पंचेन्द्रियांतु ओतप्रोत पसरिल्यान तागेलि उपासना सामभक्तीन करका म्हण्णुं सांगल्यां. तो मनांतु प्रदयुम्न रूपान, वार्णीतु वासुदेव रूपान, दोळ्यांतु नारायणा रूपान, कानांतु अनिरुद्ध रूपान आनी प्राणवायूंतु संकर्षण रूपान आश्रय करनुं आसून गायत्री मंत्र वाचक आनी नियामक जावनुं आसा.

अग्निंतु ओतप्रोत पसरिले परामात्मालि उपासना केल्लिो मनुष्य महान् तेजस्वी जावनुं, अभीष्ट अन्न, पूर्णायुष्य, ज्ञान, प्रजा-पशु आनी कीर्ति मेळ्यता. देकून, मनुष्यान अग्निमुखार बसून जेवण करन्हंय किंवा थूंकी काडन्हंय - हें व्रत आसा.

मिथुन क्रियेंतु ओतप्रोत पसरिले परमात्मालि उपासना केल्लिो मनुष्य निरंतर रेत प्राप्त करनुं अभीष्ट अन्न, पूर्णायुष्य, ज्ञान, प्रजा-पशु आनी कीर्ति मेळ्यता. देकून मनुष्यान स्त्रीजातीचि निंदा करन्हंय - हें व्रत आसा.

सूर्यांतु ओतप्रोत पसरिले परमात्मालि उपासना केल्लिो मनुष्य तेज प्राप्त करनुं अभीष्ट अन्न, पूर्णायुष्य, ज्ञान, प्रजा-पशु आनी कीर्ति मेळ्यता. देकून मनुष्यान तापचे सूर्यालि निंदा करन्हंय - हें व्रत आसा.

ढगांतु ओतप्रोत पसरिलें परमात्मालि उपासना केल्लिो मनुष्य विविध जातीचे पशु-प्राणि प्राप्त करनुं अभीष्ट अन्न, पूर्णायुष्य, ज्ञान, प्रजा-पशु आनी कीर्ति मेळ्यता. देकून मनुष्यान पावसु सिंचन करचे ढगांचि निंदा करन्हंय - हें व्रत आसा.

वसन्त ऋतुंतु ओतप्रोत पसरिले परमात्मालि उपासना केल्लिो मनुष्य अपरोक्षज्ञानान महत् तेज प्राप्त करनुं अभिष्ट अन्न, पूर्णायुष्य, प्रजा, पशु-प्राणि आनी कीर्ति मेळ्यता. देकून मनुष्यान ऋतुंचि निंदा करन्हंय - हें व्रत आसा.

पृथ्वी आनी सर्व लोकांतु ओतप्रोत पसरिले परमात्मालि उपासना केल्लिो मनुष्य सर्व लोकांचे ज्ञानान समृद्ध जावनुं अभिष्ट अन्न, पूर्णायुष्य, प्रजा-प्राणि आनी कीर्ति मेळ्यता. देकून मनुष्यान लोकांचि निंदा करन्हंय - हें व्रत आसा.

पशुप्राणिंतु ओतप्रोत पसरिले परमात्मालि उपासना केल्लिो मनुष्य सर्व पशुप्राणींन समृद्ध जावनुं अभिष्ट अन्न, पूर्णायुष्य, प्रजा-प्राणि आनी कीर्ति मेळ्यता. देकून पशु-प्राणींलि निंदा करन्हंय - हें व्रत आसा.

अवयवांतु ओतप्रोत पसरिले परमात्मालि उपासना केल्लिो मनुष्य स्वंयचेयी अवयवांतु दोश नासताना अभिष्ट अन्न, पूर्णायुष्य, प्रजा-पश आनी कीर्ति मेळ्यता. देकून तार्णे (गुरुकुलांतु आशिलें) एक वर्ष विहित आहार खावन्हंय, मादक पेय पीवन्हंय - हें व्रत आसा.

देवदेवतेंतु ओतप्रोत पसरिले परमात्मालि उपासना केल्लिो मनुष्य ते ते देवांले सालोक्य, सामीप्य आनी सायुज्य पावनुं अभिष्ट अन्न, पूर्णायुष्य, प्रजा-पशु आनी कीर्ति मेळ्यता. देकून ब्रह्मज्ञानीलि निंदा करन्हंय - हं व्रत आसा.

तीन वेदांतु प्रद्युम्न अभिप्रेत जाता. तीन लोकांतु वासुदेव अभिप्रेत जाता. अग्नि-वायु-आदित्यांतु नारायण अभिप्रेत जाता. नक्षत्र-पक्षि-सूर्यकिरणांतु अनिरुद्ध अभिप्रेत जाता. सर्प-गंधर्व-पितरांतु संकर्षण अभिप्रेत जाता. हे पांच रूपांतु साम ओतप्रोत पसरिले आसा. जो हे परमात्मरूपी साम-गायत्री विद्या जाणता, तो सर्वज्ञ जाता.

हे तरेन श्री मध्वाचार्यांनि मनुष्याले व्रताचरणाविशय विवेचन केल्लिलें आसा.

**(८२४). *सिद्धः* - जो आपण्यालें कार्यांतु पूर्ण सफल आसा, तो.**

विश्वनिर्माण आनी नियमन, साधुजनांले संरक्षण आनी दुष्ट जनांले निर्दालन - हे धर्म संस्थापनेचे कार्यांतु तो केन्नांयी असफल जायना. देकून तो सदा सर्वदा सिद्ध पुरुष आसा.

**(८२५). *शत्रुजित्* - जो शत्रूंक जिंकता, तो.**

ऋतधर्माचे पालन करचे जन परमात्माले विश्व नियंत्रणाक अनुकूल आसल्यार ताजे उल्लंघन करचे जन विश्व नियंत्रणाक प्रतिकूल आसताचि. असले प्रतिकूल प्रवृत्तींक नाश करनुं तो विजयी जायत आशिल्यान तो शत्रुजित् आसा.

**(८२६). *शत्रुतापनः* - जो शत्रूंक तापदायक आसता, तो.**

जेन्नां जेन्नां धर्माक अवकळा येता आनी अधर्माक प्रोत्साहन मेळता तेन्नां तेन्नां परमात्मा पृथ्वीवयर अवतार घेत आशिल्यान तो शत्रूंक सदा तापदायक आसता.

**(८२७). *न्यग्रोधः* - जो वडाचे झाडातरेन धृढ आनी निश्चल आसा, तो.**
**(८२८). *उदुम्बरः* - औदुम्बराचे झाडातरेन शीतल आसा, तो.**
**(८२९). *अश्वत्थः* - जो पिंपळाचे झाडातरेन विस्तार पाविलो आसा, तो.**

आध्यात्म शास्त्रांतु अस्तित्वाचि उपमा झाडाबरोबर करचांतु येता. छांदोग्योपनिषदांतु परब्रह्माचें धृढ आनी निश्चय अस्तित्व वडाचे फलांतले दर एक बीयांतु आसचे अव्यक्त ईशशक्तीचे दृष्टांत दीवनुं सिद्ध करचांतु येता. *"यं वै सोम्यैतमणिमानं न निधालयसे एतस्य वै सोम्यैषोऽणिम्न एवं महान् न्यग्रोधः तिष्ठति ।"* (छांदोग्योपनिषद). परमात्माले करुणा आनी अनुग्रह करचि प्रवृत्ती औदुम्बराचे झाडाचे फलांतले शीतल रसाचे दृष्टांत दीवनुं सिद्ध करचांतु येता. सर्व दिकान पसरून दर एक फांदयांतल्यान येवचे पाळ्ळांतल्यान फांदयांकचि सधृढ करचो दृष्टांत दीवनुं परमात्मान पसरायिले संसार सिद्ध करचांतु येता. *"ऊर्ध्वमूलोऽवाक्शाख एषोऽश्वत्थः सनातनः । तदेव शुक्रं तद् ब्रह्म ।"* (कठोपनिषद)

**(८३०). *चाणूरान्ध्रनिषूदनः* - कोणांलि शक्ति अमाप आसा, तो.**

कंसान धाडिले चाणूर नावांचे मल्लयोद्धालि हत्या करनुं कृष्णान बाल्यावस्थेंतूचि दाखयिलें असाधारण शौर्याचो उल्लेख हांगा केल्लिलो आसा.

> *सहस्रार्चिः सप्तजिव्हः सप्तैधाः सप्तवाहनः ।*
> *अमूर्तिरनघोऽचिन्त्यो भयकृद् भयनाशनः ॥ ८९ ॥*

**(८३१). *सहस्रार्चिः* - कोणांले तेज सहस्र किरणां तरेन पसरिले आसा, तो.**

सहस्र म्हळ्यार अनेक, अनंत. जे तरेन सूर्याले अनंत किरणांची कल्पना करचें साध्य ना ते तरेन भगवंताले तेज मापचें साध्यना. अर्जुना तसले अधिकारी पुरुषाकवी विश्वरूपाचें दर्शन सहस्रान्सहस्र किरणांनि प्रभावित करता अशें दिसता. *"दिवि सूर्यसहस्रस्य भवेद्युगपदुत्थिता । यदि भाः सदृशी सा स्याद्भासस्तस्य महात्मनः ।"* (गीता.११.१२).

**(८३२). *सप्तजिव्हः* - कोणांले तेज सात प्रवाहान पसरता, तो.**

जे तरेन अन्नाचो रसस्वाद तें जेविल्यान जाता, ते तरेन ब्रह्मानंदाचो अनुभव अग्निचे- चैतन्याचे - सात प्रवाहांन पसरिले अग्नि -चैतन्यांतल्यान जाता. अग्निचे सात चैतन्य प्रवाह आसाचि - *काली, कराली, मनोजवा, सुलोहिता,*

*सुधूम्रवर्णा*, *स्फुलिंगिनी* आनी *विश्वरुची*. यज्ञरुपी जीवनांतु जेन्नां कर्माचि आहुति दिवचांतु येता, तेन्नां हृदयांतले परमात्मालें सात चैतन्य प्रवाह प्रज्वलित जाताचि. *"काली कराली च मनोजवा च सुलोहिता या च सुधूम्रवर्णा । स्फुलिंगिनी विश्वरुची च देवी लेलायमाना इति सप्तजिह्वाः ॥ एतेषु यश्चरते भ्राजमानेषु यथाकालं चाहुतयो ह्याददायन् । तं नयंत्येताः सूर्यस्य रश्मयः यत्र देवानां पतिरेकोऽधिवासः ॥"* (मुण्डकोपनिषद) तेचि सूर्य किरणांतरेन परमात्माले परम पदा दिकान साधकाक प्रयाण करताचि. *"अग्निर्ज्योतिरहः शुक्लः षण्मासा उत्तरायणम् । तत्र प्रयाता गच्छन्ति ब्रह्म ब्रह्मविदो जनाः ॥ धूमो रात्रिस्तथा कृष्णः षण्मासा दक्षिणायनम् । तत्र चान्द्रमसं ज्योतिर्योगी प्राप्य निवर्तते ॥"* (गीता.८.२४-२५).

**(८३३). *सप्तैधाः* - कोणांले चैतन्य सात तरेन प्रभावित करता, तो.**
**(८३४). *सप्तवाहनः* - कोणांले चैतन्य सात तरेन प्रादुर्भाव जाता, तो.**

हृदयांतु आशिलें परमात्माले चैतन्य अनेक तरेन प्रभावित जाता. योग शास्त्रानुसार मनुष्याले शरीरांतु तेजाचे सात चक्रं किंवा केन्द्रस्थानं आसताचि - *मूलाधार, स्वाधिष्ठान, मणिपुर, अनाहत, विशुद्ध, आज्ञा* आनी *ब्रह्मरन्ध्र*. जेन्ना मूलाधारांतु आशिलि *कुण्डलिनि* शक्ति प्राणायामाचे मुखांतर जागृत जाता तेन्नां ती प्रत्येक चक्राक तेज आनी चैतन्य दीत अखेरिक ब्रह्मरन्ध्राक पावता. ते क्षणाक साधक भगवद् दर्शन जाता.

कुण्डलिनी शक्ति जागी करचे खातीर सात तरेचि आहुति - द्रव्य, व्रत, इन्द्रियसंयम, तप, स्वाध्याय, योग आनी ज्ञान - प्रदान करचि प्रक्रिया येवजिल्या.

मनुष्याले शरीरांतुचि भूः, भुवः, स्वः, महः, जनः, तपः, आनी सत्य हे तरेन सात लोक आसून, भगवंतालें चैतन्य - ॐकार - शरीराचे ते लोक उत्तरोत्तर प्रकाशित करता. देकून ॐकाराचो उच्चार पयलें करनुं मागीर गायत्रि मंत्राचो जप करचांतु येता.

जेन्नां पांच ज्ञानेन्द्रियं, मन आनी बुद्धि *स्वस्थ* जाताचि तेन्नां मनुष्यालि दृष्टी परमागती दिकान केन्द्रित जाता म्हण्णुं कठोपनिषदांतु सांगल्यां - *"यथा पंचावतिष्ठान्ते ज्ञानानि मनसा सह । बुद्धिश्च न विचेष्टति तां आहुः परमां गतीम् ॥"*

तेचि तरेन स्वराचे सात सूर आनी प्रकाशाचे सात रंगाचे माध्यमांतल्यान मनुष्य नाद-बिन्दुची साधना करनुं स्वानंद अनुभवता. चैतन्याक चलन दिवचे सात अश्व - *आदित्य, विवस्वान्, अर्क, सविता, नारायण, गभस्तिमान आनी हरिदृश्व* - रुपान भगवंताले तेज विश्वांतु पसरायताचि.

**(८३५). *अमूर्तिः* - कोणांले सरूप अव्यक्त आसा, तो.**

विश्वांतु चैतन्य अनेक माध्यमांतल्यान पसरनुंबी परमात्मा स्वतः अमूर्त रुपान वावुरता. बृहदारण्यकोपनिषदांतु *"द्वे वाव ब्रह्मणो रूपे मूर्तं चैवामूर्तं च । मर्त्यं चामृतं च । स्थितं च यच्च । सच्च त्यं च ॥"* म्हण्णुं स्पष्टीकरण करचांतु आयल्यां. परामात्माक स्वरूप - आपण्यालेंचि असलें सूक्ष्म रूप - आसता.

परब्रह्मालें स्वरूप दोन तरेन व्यक्त जाता - मूर्त आनी अमूर्त, मर्त्य आनी अमृत, अधिष्ठित आनी सत्स्वरूप. अव्यक्त प्रकृति आनी वायु हे अमूर्त, अमृत आनी सत्स्वरूप आसून व्यक्त प्रकृति आनी जीव समूह मूर्त, मर्त्य आनी अधिष्ठित आसाचि म्हण्णुं श्री मध्वाचार्यांनि विशेचन करताचि. *"मूर्तामूर्तमिदं रूपं ब्रह्मणः प्रतिकात्मकम् । नैव स्वरूपमेतत् स्यात् तद्धि सर्वपरं सदा । श्रीयो वायोर्विरिंचाच्च येऽन्ये मूर्ताहि ते स्मृताः ॥"*

गीतेंतुयी श्री कृष्ण आपण्याले स्वरूपाचें स्पष्टीकरण करता *"परस्तस्मात्तु भावोऽन्योऽव्यक्तोऽव्यक्तात्सनातनः । यः स सर्वेषु भूतेषु नश्यत्सु न विनश्यति ॥ अव्यक्तोऽक्षर इत्युक्तस्तमाहुः परमां गतीम् । यं प्राप्य न निवर्तन्ते तद्धाम परमं मम ॥ पुरुषः स परः पार्थ भक्त्या लभ्यस्त्वनन्यया । यस्यान्तःस्थानि भूतानि येन सर्वमिदं ततम् ॥"* (८.२०-२२).

भगवंताक स्वरूप आसता म्हण्णूंचि श्री कृष्ण अर्जुनाक सांगता *"पश्य मे पार्थ रूपाणि शतशोऽथ सहस्रशः । नानाविधानि दिव्यानि नानावर्णाकृतीनि ॥"* (११.५). पुण तागेले हें रूप संसारांतु दिसचे भौतिक, जड, व्यवहारिक रूप नासता. ऋग्वेदांतु *"न तस्य प्रतिमा अस्ति यस्य नाम महद्यशः ।"* म्हण्णुं परमात्माले मूलरूपाविशय साक्ष दिलिली आसा. तें आध्यात्मिक वेणची रूप मनुष्याले प्राकृतिक दोळ्यांनि पोळेवचाक शक्य ना. *"न तु मां शक्यसे द्रष्टुमनेनैव स्वचक्षुषा । दिव्यं ददामि ते चक्षुः पश्य मे योगैश्वरम् ॥"* (११.८). *"सुदुर्दर्शमिदं रूपं दृष्टवानसि यन्मम । देवा अप्यस्य रूपस्य नित्यं दर्शनकाङ्क्षिणः ॥ नाहं वेदैर्न तपसा न दानेन न चेज्यया । शक्य एवंविधो द्रष्टुं दृष्टवानसि मां यथा ॥"* (११.५२-५३).

## (८३६). अनघः - कोणांक संसारांतले पाप बाधक जाय ना, तो.

परमात्मालें अस्तित्व दर एक चेतनाचेतन जीव-जगांतु आसल्यारियी तागेले पाप किंवा अपूर्णता ताका बाधक जाय ना. *"नादत्ते कस्यचित्पापं न चैव सुकृतं विभुः। . . . न च मां तानि कर्माणि निबध्नन्ति धनञ्जय । उदासीनवदासीनमसक्तं तेषु कर्मसु ॥ . . . यथा सर्वगतं सौक्ष्म्यादाकाशं नोपलिप्यते । सर्वत्रावस्थितो देहे तथात्मा नोपलिप्यते ॥"* (गीता.५.१५; ९.९; १३.३३).

## (८३७). *अचिन्त्यः* - कोणांले स्वरूप कल्पनेचे पेलतडेन आसा, तो.

परमात्मा जरी जीव-जगांतु पसरून अभिप्रेत जाल्यारियी तागेलें मूल स्वरूप शुद्ध गुणरहित आसता. ताका लागून तागेलें वर्णन वाणी किंवा ध्यान जायना. *"यतो वाचो निवर्तन्ते अप्राप्य मनसा सह ।"* म्हण्णुं तैत्तिरीय उपनिषद सांगता. शब्दाचो व्यवहार काल, देश आनी संदर्भानि सीमित आसता.

## (८३८). *भयकृद्* - जो पापी जनांले काळजांतु भय निर्माण करता, तो.

*"यदा ह्येवैष एतस्मिन्नुदरमंतरं कुरुते । अथ तस्य भयं भवति । तत्त्वेव भयं विदुषोऽमन्वानस्य । तदप्येष श्लोको भवति । भीषास्माद्वातः पवते । भीषोदेति सूर्यः । भीषास्मादग्निश्चेन्द्रश्च । मृत्युर्धावति पंचम इति ॥"* (तैत्तिरीय उपनिषद) - जो मनुष्य परमात्म आनी ताणें अभिप्रेत जालिले रूपांतु भेद पळयता तो भियेता. भगवंताले भयानचि वायु प्रवाहित जाता; सूर्य उदय पावता; अग्नि, इन्द्र, यम आप-आपण्यालीं कर्तव्यं करताचि.

## (८३९). *भयनाशनः* - जो भक्तांले काळजांतलें भय नाश करता, तो.

*"यदा ह्येवैष एतस्मिन्नदृश्येऽनात्म्येऽनिरुक्तेऽनिलयनेऽभयं प्रतिष्ठां विन्दते । अथ सोऽभयं गतो भवति ।"* अदृष्य आसल्यारियी, जीवाले अल्पज्ञानान बाधा नासल्यारियी, पूर्णरीतीन वर्णन जावचाक शक्य नासल्यारियी सर्वांक आश्रय दिवचो भगवंत साधकांक निर्भय ज्ञान दीवनुं ते निर्भय परमपदाक पावयता. *"यतो वाचो निवर्तन्ते अप्राप्य मनसा सह आनंदं ब्रह्मणो विद्वान् न बिभेति कुतश्चनेति । एतँ ह वाव न तपति । किमहँ साधु नाकरवम् । किमहं पापकरमिति ।"* - पूर्णानंदस्वरूपाचे ज्ञान प्राप्त करत नासताना मन आनी वाणि परत फिरताचि ते ब्रह्माले आनंद जाणचे मनुष्य केन्नांयी भीयेना. असलो ज्ञानी मनुष्य 'आपण्यान पुण्य कर्म कित्याक केलि नांचि ?' 'आपण्यान पापकर्म कित्याक केलिं ?' म्हण्णुं पश्चात्तापान संताप करनुं घेना.

*अणुर्बृहत्कृशः स्थूलो गुणभृन्निर्गुणो महान् ।*
*अधृतः स्वधृतः स्वास्यः प्रग्वंशो वंशवर्धनः ॥ ९० ॥*

हे श्लोकांतलीं नावं परमात्मालें अनिर्वचनीय गुणांचो उल्लेख करताचि.

(८४०). *अणुः* - जो सूक्ष्मांतु सूक्ष्म आसा, तो.
(८४१). *बृहत्* - जो व्होडांतु व्होड आसा, तो.
(८४२). *कृशः* - जो बारीकांतु बारीक आसा, तो.
(८४३). *स्थूलः* - जो लठ्ठांतु लठ्ठ आसा, तो.
(८४४). *गुणभृत्* - जो गुणं धारण करता, तो.
(८४५). *निर्गुणः* - कोणांक गुणं बन्धनकारक नांचि, तो.
(८४६). *महान्* - जो अति श्रेष्ठ आसा, तो.
(८४७). *अधृतः* - कोण मूर्त-अमूर्ताचे पेलत्तडेन आसा, तो.
(८४८). *स्वधृतः* - कोणें स्वतःचे असलें मूर्तरूप धारण केल्यां, तो.
(८४९). *स्वास्यः* - कोणांलें रूप सुंदर आसा, तो.
(८५०). *प्राग्वंशः* - कोणांपासून सर्व संसाराचि सुरवात जाल्या, तो.
(८५१). *वंशवर्धनः* - कोण वांशाचो विस्तार करता

बृहदारण्यकोपनिशद्भाष्यांतु श्री मध्वाचार्य स्पश्टायताचि *"प्रसिद्धस्थूलसूक्ष्मादिवैलण्याद् जनार्दनः अस्थूलादिरिति प्रोक्तो दैव स्थौल्याद्यभावतः । अनावृतेस्तमो नास्य सातंत्र्यान्नाद्यते क्वचित् । . . . न तस्य प्राकृता मूर्तिर्मांसेदोऽस्थि संभवा । नयोगित्वीश्वयत्वात् सत्यस्माच्युतो विभुः । इति वराहे । आदित्यवर्णतमसस्तु पारे इत्यादेश्च । न सत्तन्नासदुच्यते । अदुःखमसुखं समम् । न प्रज्ञं नाप्रज्ञम् इत्यादि च । इति अक्षर ब्राह्मणं ॥"* - प्रादुर्भाव जावनुं बारीक-लठ्ठ हे तरेन विलक्षणवंत जाल्लिलो परमात्मा अस्थूल अनणु म्हण्णुं संबोधित जाता शिवाय स्थूल किंवा अणुत्व नासता म्हण्णुं न्हंय. आवरण रहित आशिल्यान तो अतम म्हणोवचांतु येता. तो स्वतंत्र आशिल्यान कोणांपासूनयी तागेलो संहार जायना . . . प्राकृत आकार नाशिल्यान ताका मांस, हाडांचे शरीर ना. तो असंग, सर्वव्याप्त, सत्य-चिन्मयरूपाचो आसा. 'सूर्यातरेन रंगाचो, अंधःकाराचे पेलत्तडेन आशिलो' असले वेदमंत्रावयल्यान तागेले शरीराक अ-प्राकृत रूप आसता म्हण्णुं समजता. तेचि तरेन तागेले विशय ब्रह्म 'सत् किंवा असत्' म्हण्णुं सांगचांतु आयलें ना. ब्रह्म 'सुख नाशिलो दुःख नाशिलो किंवा समान'; 'ज्ञानी किंवा अज्ञानी' हे तरेची व्याख्याबी आसा. हे तरेन तो अक्षरबी आसा.

*भारभृत्कथितो योगी योगीशः सर्वकामदः ।*
*आश्रमः श्रमणः क्षामः सुपर्णो वायुवाहनः ॥ ९१ ॥*

(८५२). *भारभृत्* - कोण सर्व विश्वाचें वजन व्हांवता, तो.

विश्व निर्माण केल्ले नंतर तें सांभाळचि जवाबदारी परमात्मालीचि आसता. अनंत-शेष रूपान तो भूभार निर्वाह करता. कूर्मावतार धारण करनुं हिरण्यकेशी असुराले नाश करनुं मनुष्यांस्वातीर पृथ्वी रसाळांतल्यान सुरक्षित वयर हाडता. ऋग्वेदांतु विष्णुले विश्वास्वातीर केल्लिले अनेक वीर्यकर्मांचि गाथा आसा. *"तो रजांसि विममे पार्थिवानि त्रिश्चिद्विष्णुर्मनवे बाधिताय । तस्य ते शर्मन्नुपदद्यमाने राया मदेम तन्वा ३ तना च ॥"* (६.४९.१३) विष्णुदेव ही पृथ्वी मनुष्यांनि निवास करचे स्वातीर दिल्लिली आसा. *"वि चक्रमे पृथिवीमष एतां क्षेत्राय विष्णुर्मनुषे दशस्यन् । ध्रुवासो अस्य कीरयो जनास उरुक्षितिं सुजनिमा चकार ॥"* (७.१००.४). जो मनुष्य हे प्राचीन आनी नित्यनूतन आनी स्वयंभू विष्णूक हवि दीवनुं ते महानुभावाचें संकीर्तन करता तो अन्न आनी कीर्तिन संपन्न जावनुं विष्णुले परमपदाक पावता.

(८५३). *कथितः* - कोणालें पराक्रमांचे संकीर्तन करचांतु येता, तो.

*"तनु स्तोतारः पूर्व्यं यथा विद ऋतस्य गर्भं जनुषा पिपर्तन् । आस्य जानन्तो नाम चिद्विवक्तन महस्ते विष्णो सुमतिं भजामहे ॥"* (ऋग्वेद.१.१५६.३). विष्णुले नमनीय नांवाचे महत्व जाणून ते महनीय भगवंताले संकीर्तन करका.

(८५४). *योगी* - जो स्वतःचे आत्माबरोबर संयोजित आसा, तो.

योग हो शब्द *'युज्'* - जोडचें, संयोजित करचें हे मूलधातूवयल्यान आलिलो आसा. जेन्नां जीवात्मा विश्वांतलो यथार्थ जाणून स्वतःचे आत्माचो संबंध परमात्मा बरोबर संयोजित करता तेन्नां तो योगी जालो म्हणयेत. पुण परमात्मान कोणाबरोबर संबंध बांदचो ?

भगवंत गीतेंतु जाग्यान् जाग्यार योग, योगी हे शब्दांवयर विवेचन जालिलें आसा. *"इमं विवस्वते योगं प्रोक्तवानहमव्ययम् । सर्वभूतस्थमात्मानं सर्वभूतानि चात्मनि । ईक्षते योगयुक्तात्मा सर्वत्र समदर्शनः ॥"* (६.२९) *"आत्मौपम्येन सर्वत्र समं पश्यति योऽर्जुन । सुखं वा यदि वा दुःखं स योगी परमो मतः ॥"* (६.३२) *"पश्य मे योगमैश्वरम् ।"* (११.८) *"योगेश्वरो हरिः दर्शयमास पार्थाय परमं रूपमैश्वरम् ।"* (११.९).

हे सर्व परिभाशेचें परिशीलन केल्यार दिसून येता कीं भारताचे इतिहासांतु श्री कृष्णातसलो महान् भोगी योगीबी जावनुं वावुरलो. हे तरेन भोग-योगांतले समन्वय श्री कृष्णान आपण्यालें योगसामर्थ्याक लागून केलें म्हण्णुं भागवत पुराण *"वीक्ष्य रन्तुं मनश्चक्रे योगमायामुपाश्रितः ।"* म्हण्णुं प्रतिपादन करता. देकून परमात्माचि श्रेष्ठांतु श्रेष्ठ योगी जावनुं आसा.

## (८५५). *योगीशः* - जो सर्व योगींजनांतु श्रेष्ठ आसा, तो.

*योगी, योगेश्वर, योगेश्वरीश्वरः* हे शब्दांचो उपयोग करनुं श्री कृष्णालो उल्लेख भागवत पुराणांतु आनी गीतेंतु जालिलो आसा.

## (८५६). *सर्वकामदः* - जो भक्तांली सर्व कामना परिपूर्ण करता, तो.

वास्तविक काम आनी कामना वायट आसना. पुण जेन्नां तीं स्वतःचे इन्द्रियसुखा खातीर उपयोजनेंतु हाडचांतु येताचि तेन्नां तीं मनुष्याले जीवन सकयलचे पातळीवयर वावुरताचि. जेन्नां ते कामनेचें लक्ष्य परमात्मा दिकान केन्द्रित जाता तेन्नां ते कामनेक दिव्यत्व येता आनी मनुष्याले जीवनाक अमृतत्व प्राप्त जाता.

बृहदारण्यकोपनिषदांतु सृष्टिनिर्मिती विषय उलयताना सांगल्या - *"आत्मैवेदमग्र आसीत् एक एव । सोऽकामयत जाया मे स्यात् । अथ प्रजायेय । अथ वित्तं मे स्यात् ।अथ कर्म कुर्वियेति । एतावान् वै कामः ।"* गीतेंतु श्री कृष्ण स्वतः स्पष्ट करता. *"धर्माविरुद्धो भूतेषु कामोऽस्मि भरतर्षभ ।"* परमात्माले संकल्पाक लागून सृष्टीचि निर्मिती जालि. जेन्नां मनुष्याले संकल्प शुद्ध आनी पवित्र आसताचि तेन्नां तागेलें निर्माण पावन आसता आनी ताजें संरक्षण परमात्मा करता. *"अनन्याश्चिन्तयन्तो मां ये जनाः पर्युपासते । तेषां नित्याभियुक्तानां योगक्षेमं वहाम्यहम् ॥"* (गीता.९.२२). मुण्डकोपनिषदांतु हाका प्रतिसाद मेळ्ता. *"यं यं लोकं मनसा संविभाति विशुद्धसत्वः कामयते यांश्च कामान् । तं तं लोकं जयते तांश्च कामास्तस्मादात्मज्ञं ह्यर्चयेद्भूतिकामः ॥"*. नारद भक्तिसूत्रांतु म्हळ्यां *"तत् तु विषयत्यागात् सङ्गत्यागात् ।"* हे सूत्राचो अर्थ विंगड एक सूत्राचो उल्लेख केलिल्यान जाता - *"लोकवेदेषु तदनुकूलाचरणं तद्विरोधिदूसीनता ।*

## (८५७). *आश्रमः* - जो प्रलय काला नंतर सर्व जीव-जगत्चें आश्रय स्थान जावनुं आसा, तो.

परमात्मालें परम पद हें जीवात्मालें अंतिम आश्रय स्थान जावनुं आसा. देकून स्वतः भगवंतान गीतेंतु हे स्थानाचें प्रतिपादन केलिलें आसा. *"भक्त्या मामभिजानाति यावान्यश्चास्मि तत्वतः । ततो मां तत्वतो ज्ञात्वा विशते तदनंतरम् ॥ सर्वकर्मण्यापि सदा कुर्वाणो मद्व्यपाश्रयः । मत्प्रसादादवाप्नोति शाश्वतं पदमव्ययम् ॥ . . . तमेव शरणं गच्छ सर्वभावेन भारत । तत्प्रसादात्परां शान्तिं स्थानं प्राप्स्यसि शाश्वतम् ॥ . . . सर्वधर्मान्परित्यज्य मामेकं शरणं व्रज । अहं त्वा सर्वपापेभ्यो मोक्षयिष्यामि मा शुचः ॥"* (१८.५५-५६; १८.६२; १८.६६). हे परमपदाचे वर्णन नारदान भक्तिसूत्रांतु केलिलें आसा. *"सा त्वस्मिन्परमप्रेमस्वरूपा । अमृतस्वरूपा च ! यल्लब्ध्वा पुमान् सिद्धो भवति अमृतो भवति तृप्तो भवति । यत् प्राप्य न किञ्चिद् वाञ्छति न शोचति न द्वेष्टि न रमते नोत्साही भवति ॥ यत् ज्ञात्वा मत्तो भवति स्तब्धो भवति आत्मारामो भवति ।"*

**(८५८). श्रमण: - जो विश्राम करता, तो.**

*"श्राम्यति तपस्यति इति श्रमण: ।"* म्हण्णुं साधारणत: श्रम आनी तप शब्दाचि व्यास्त्या करचातु येता. पुण परमात्मा *श्रम* किंवा *तप* करता म्हळ्यार आपण्याले शक्ति ह्रास करता किंवा आपण्याले तेज वाढयता म्हण्णुं न्हंय. श्री मध्वाचार्यांनि *श्रम* शब्दाचें स्पश्टीकरण :*"शक्तिविस्रंसने चापि शयने चापि कीर्तित: । श्रमशब्दो हरेर्नैव शक्तिविस्रंसनं क्वचित् । अतो हरे: श्रमो नाम शयनं संप्रकीर्ततम् । इति ब्रह्मतर्के । तस्यामश्राम्यत् इति साधिकरणत्वाच्च शयनं युक्तं ।"* म्हण्णुं केलिलो आसा. तेचि तरेन *तप* शब्दाचो अर्थ *"सृष्ट्वा स पृथिवीं विष्णु: शेतेऽनंतेऽब्धिमध्यग: । तस्यां पृथिव्यां श्वेताख्ये द्वीपे मुक्तैस्यासित: । इति मुक्तिसंहितायां ॥ तप्त आलोचनायुक्तस्तस्मात् कार्यार्थकामना । तप्तता तु हरेस्त्का कृतो द:खौ हरे: प्रभो: । इति ब्रह्मतर्के ।"* म्हण्णुं केलिलो आसा. *श्रम* हे शब्दाक शक्ति कमी जावचि आनी आराम करचें म्हण्णुं दोन अर्थ असाचि. हरिलि शक्ति कमी जालि म्हण्णुं अर्थ करचो अयोग्य आशिल्यान हरि आराम करता म्हणचें योग्य आसतालें. प्रलयकाळ्प नंतर क्षीरसागरांतले श्वेतद्वीपांतु मुक्तजीवांकडचान सेवा करनुं घेत श्री विष्णु शेषाशयनावयर आराम करता म्हण्णुं ब्रह्मतर्कांतु सांगल्या. *तप्त* शब्दाचो अर्थ कार्य करचे इच्छा आसचें म्हण्णुं आसून हरिलें *तप* म्हळ्यार सृष्टी निर्माण करचि तागेलि इच्छा म्हण्णुं समजका. *तप* शब्दाचो अर्थ दु:स्व म्हण्णुं केल्यार सर्वांलो स्वामी जावनुं आशिले हरीक दु:स्व कसलें आसतालें ?

**(८५९). *क्षाम:* - जो भक्तांले कर्मांचो प्रभाव क्षीण करता, तो.**

जीव आपण्यान दरदिवस केलिले कर्मांपासून बन्धित आसता. पुण जो जीव परमात्माक शरण वता तो सर्व कर्मबन्धनांतल्यान मुक्त जावनुं परमगतीक पावता म्हण्णुं स्वत: भगवंतान आश्वासन दिलिलें आसा. *"मत्कर्मकृन्मत्परमो मद्भक्त: सङ्गवर्जित: । निर्वैर: सर्वभूतेषु य: स मामेति पाण्डव ॥ . . . मां च योऽव्यभिचारेण भक्तियोगेन सेवते । स गुणान्समतीत्यैतान् ब्रह्मभूयाय कल्पते ॥ . . . सर्व धर्मान्परित्यज्य मामेकं शरणं व्रज । अहं त्वा सर्वप्पेभ्यो मोक्षयिष्यामि मा शुच ॥"* (गीता.११.५५; १४.२७; १८.६६).

**(८६०). *सुपर्ण:* - कोणांले पंख सुंदर आसाचि, तो.**

सर्व साधारण गरुड पक्षीक सुपर्ण म्हण्णुं संबोधन करचांतु येता. पुण हांगा वाहनापेक्षां वाहकाक हें विशेषण जास्त योग्य आासा. सु-पर्ण म्हळ्यार सुशोभित किरणं म्हळ्यार यथार्थ जायत. सूर्याक आनी ताका लागून विष्णूक उडचे पक्षीचि उपमा दिवचांतु आयल्या. देकून सु-पर्ण म्हळ्यार शुभस्वरूप किरणांचो भगवान श्री विष्णु जावनुं आसा.

**(८६१). *वायुवाहन:* - जो प्राणवायूक प्रवृत्त करता, तो.**

*पुरमेकादशद्वारं अजस्यावक्रचेतस: । अनुष्ठाय न शोचति विमुक्तश्च विमुच्यते ॥ एतद्वैतत् ॥ हंस: शुचिषद्वसुरंतरिक्षसद्धोता वेदिषदतिथिर्दुरोणसत् । नृषद्वरसदृतसद्व्योमसदब्जा गोजा ऋतुजा अद्रिजा ऋतं बृहत् ॥ ऊर्ध्व प्राणमुन्नयति अपानं प्रत्यगस्यति । मध्ये वामनमासीनं विश्वेदेवा उपासते ॥"* (कठोपनिषद) - अकरा दरवाजे आशिले हें शरीर परमात्माले आधीन आसा म्हण्णुं जाणून जो त्याग आपण्याले आचरण त्याग बुद्धीन करता, ताोचि दु:स्व नाशिलें मोक्ष मेळयता. हेंचि परमात्मालें चित्स्वरूप आसा. तो परमात्मा आकाशांतु हंसातरेन भ्रमण करचो, यज्ञांतु पूजचो, कलशांतलो सोमरस आसून मनुष्य, देव, ऋत आनी वेदप्रतिपादय आसा. तो शरीरांतु वामन रूपान आसून मुख्यप्राणाचे माध्यमान जीवांक प्रेरित करता. कठोपनिशद्भाष्यांतु श्री मध्वाचार्यांनि सांगिल्लें तरेन प्राण स्वतंत्र रीतीन मनुष्याले जीवन प्रेरित करनासताना श्री विष्णूले आश्रयान जीवांक चैतन्यप्रदान करता.

***धनुर्धरो धनुर्वेदो दण्डो दमयिता दम: ।***
***अपराजित: सर्वसहो नियन्तानियमोऽयम: ॥ ९२ ॥***

**(८६२). *धनुर्धरः* - जो धनुष्य धारण करता, तो.**

धनुष्य हें केवल शौर्याचें प्रतीक आस नासताना सहिष्णुतेचें संकेतबी करता. भगवान विष्णुले धनुष्याचें नांव शारङ्ग आसून तें श्रृंग-शिंगांतु आसचें सामर्थ्य सूचित करता. राजाले मुकुटावयर शिंगांचो किंवा तांचे आकारांचो चिन्ह दाखोवनुं जे तरेन राजालि शक्ति सामर्थ्य प्रगट करचांतु येता ते तरेन लग्नाचे व्हॉरेताक प्रजोत्पादनेक जरूर आसचें वीर्य प्राप्त जावूं म्हण्णुं बाशिंग बांदचांतु येता.

शारङ्गाचो दुसरो अर्थ आध्यात्मिक आसा. जेन्नां कुण्डलिनी शक्ति मूलाधारांतल्यान भायर सरनुं उधोन्मुख जावनुं सहस्रचक्राक पावता, तेन्नां शरीरतिंले मुख्यप्राण मनाक स्थायीभाव दीवनुं प्रज्ञावंत करता. वीर्य पुरुषाले हातांतलो धनुष्य तो स्थायीभाव दर्शित करता जो इन्द्रियांचे आकर्शणांनि मन विचलित करना.

देकून विष्णुलें धनुर्धारी किंवा शारङ्गपाणि नांव न केवल भौतिक दृश्टीन तर आध्यात्मिक दृश्टीन शारङ्गधर बी पोळोवचें आवश्यक आसता. *"प्रणवो धनुः शरो ह्यात्मा ब्रह्म तल्लक्ष्यमुच्यते ।"* (मुण्डकोपनिषद) प्राणायामाचें मुखांतर ॐकार धनुष्य आनी आपण्यालो जीवात्मा बाण म्हण्णुं माननुं मनुष्यान परामात्मा हें अंतिम लक्ष्य करचाक जाय.

**(८६३). धनुर्वेदः - जो हें धनुष्यांतलें मर्म जाणता, तो.**

धनुर्वेद यजुर्वेदाचो एक उपवेद आसा आनी ताजो प्रणेता विश्वामित्र ऋषि. मुण्डकोपनिषदांतु धनुचो अर्थ प्रणव म्हण्णुं केलिल्यान आनी ऋषी विश्वामित्र गायत्री मंत्राचो प्रवर्तक आशिल्यान धनु शब्दांतु गूडार्थ आसचें साध्य आसा. धनुर्वेद अध्यात्म विद्या आनी अपरोक्ष ज्ञानाचें साधन जावनुं आसून ॐ हें उच्चारान कुण्डलिनी शक्तिक स्फुरण करचांतु येता. तेन्नां ॐकार धनुष्याचे आनी जीवात्मा बाणाचे स्वरूप घेवनुं श्री विष्णूलें अपरोक्ष ज्ञान हें अंतिम लक्ष्य करचांतु येता.

**(८६४). *दण्डः* - जो दुष्टांक दण्डन करता, तो.**
**(८६५). *दमयिता* - जो दुष्टांक दमन करता, तो.**
**(८६६). *दमः* - जो स्वयं नियंत्रित आसा, तो.**

जे कोण दमन, दण्डन करताचि तांका दण्डः म्हणताचि. *"दमनात् दण्डनात् चैव तस्मात् दण्डं विदुः बुधाः ।"* म्हण्णुं वचन आसा. दुर्जनांक दण्ड दिवचें आनी सज्जनांक सदाचरणेंतुबी नियंत्रित दवरचें भगवद् शक्तिक लागून साध्य जाता. *"व्युत्थाननिरोधसंस्कारयोरभिभव प्रादुर्भावौ निरोधक्षणचित्तान्वयो निरोध परिणामः ॥"* (पातंजल योग)- जेन्नां मनुष्य आपण्याले सामान्य अनुभवबी बुद्धिपूर्वक नियंत्रणेंतु हाडता तेन्नां तागेले मनांतले विचारांचो कोलाहल शान्त जाता. हे साधनेक मनांतले विचारांवयर निरोध हाडचें, नियंत्रित करचें म्हणताचि. हे तरेन केलिल्यान सर्वदिकान पसरिले प्रकृतींतलें ज्ञान लोहचुम्बका तरेन आकर्शित जावनुं साधकाक परमानंद पद प्राप्त करनुं दिता. *"तदा सर्वावरणमलपेतस्य ज्ञानस्याऽनन्त्याज्ज्ञेयमल्पम् ।"* (पातंजल योग). ताकाचि अपरोक्षज्ञान म्हणताचि. जेन्नां मनुष्य भगवंताक *सर्वभावेन* आनी *सर्वधर्मान् परित्यज्य* शरण वता तेन्नां ते श्रद्धावान् भक्ताले साधनेंतु आनी जीवनांतु भगवंतालें वैभव येता.

**(८६७). अपराजितः - जो कोणांपासूनचि पराजित जाय ना, तो.**

धनुर्धरः पासून दमः पर्यंत दर एक शब्दांचो अर्थ अखेरीक भगवंताले सर्वव्यापी स्वयंशक्तीचे साक्ष दिता. असले स्वानुभवी पुरुष कोणांपासूनयी पराभव जावूं शकना. जेन्नां स्वतः परामात्मा आपण्याले अविरत प्रकाशाचे किरणं आनी शक्तिचें तेज पसरायता तेन्नां थंय माया आनी मोहाचि पडछाया खंयचान पडतालि ?

**(८६८). *सर्वसहः* - जो सर्व सहन करता, तो.**

जो अपराजित आसा तो *सर्वसहः* - आपण्याले आंतरिक सहनशक्तिन सामर्थ्यवान् आसता. तागेले वयर शत्रूले शस्त्र प्रभाव पडना. देकून शूर मनुष्यचि पराजित जाल्लिले प्रतिस्पर्धीले दोष सहन करनुं ताका क्षम करू शक्ता. कोणाक सतःचे आंतरिक शक्तिचो आत्म विश्वास आसा तोचि क्षमाशील आसा.

**(८६९). *नियंता* - जो सर्वांवयर नियंत्रण दवरता, तो.**
**(८७०). *अनियमः* - जो स्वतः कोणांपासूनयी नियंत्रित आसना, तो.**
**(८७१). *अयमः* - जो सर्वांक उत्स्फूर्त करता, तो.**

परमात्मा विश्वाचे निर्माण स्वयंस्फूर्तीन आशिल्यान तो सतंत्र आनी सर्व जीव-जगत् तागेलें नियंत्रणा सकयल आसता. तो स्वतः कोणांपासूनयी नियंत्रित आसना. तो सर्व नियमांपासून स्वतंत्र, स्वच्छंद आनी स्वस्फूर्त आसता. देकून ताका ब्रह्म ही संज्ञा प्राप्त जालि. *बृ - बृहत्वम्. "भ्रान्तो हि अस्मिन् गुणः इति ब्रह्म ।"* म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य व्यारव्या करताचि. जर तागेले अवतारांतु प्रकृति आनी समाजाचे नियमांनि बांधिल्लो तरेन दिसता तर तें केवल जनसामान्यांक प्रमाण, आदर्श घालनुं दिवचे स्वातीर आसा.

*सत्ववान् सात्विकः सत्यः सत्यधर्मपरायणः ।*
*अभिप्रायः प्रियार्होऽर्हः प्रियकृत्प्रीतिवर्धनः ॥ ९३ ॥*

**(८७२). सत्ववान् - जो सत्वशील आसा, तो.**

जेन्नां परमात्मान सृष्टीचि निर्मिती केली तेन्नां तार्णे तांतूत आपण्यालें सत्व अंशस्थान दवरलें. *"स मिथुनमुत्पादयते । रयिं च प्राणं चेति । एतौ मे बहुदा प्रजाः करिष्यत इति ।"* - द्रव्य आनी तेजाचे संयोगान प्रजा निर्माण जाता. *"आदित्यो ह वै प्राणो रयिरेव चन्द्रमाः ।"* सूर्य परमात्मालें तेज आनी चन्द्र तागेलें सत्व पसरायता. हे तरेन प्रेरित केल्लिले सृष्टींतु स्वतः सत्वशील आशिलो भगवान् आपण्यालें सत्वशील, सर्जनशील आनी चैतन्यमयी तेजांश दवरता.

**(८७३). सात्विकः - जो सत्वगुणांनि परिपूर्ण आसा, तो.**

सत्वगुण हो ब्रह्मीभाव आसा. जे जे कारणांक लागून जीव भगवंतादिकान आकर्शित जाता ते ते सर्वांतु ज्ञान, प्रकाश, सुख, चैतन्य असलिं सत्व गुणं आसचि हें जाणचाक जाय. ते सत्वगुणांचो आधार प्रसाद, हर्ष, प्रीति, असंदेह, धृति आनी स्मृर्तीतु आशिल्यान स्वंय स्वंय तांचो प्रत्यक्ष अनुभव येता थंथय थंय मनुष्यांतु सात्विक गुणांची वृद्धी जाल्लिली आसून तागेलि दृष्टी उर्ध्वगतीन परमपदाक पावता - *"ऊर्ध्वं गच्छन्ति सत्त्वस्था"* म्हण्णुं गीता (१४.१८) स्पष्टायता.

**(८७४). *सत्यः* - जो तीनयी काळ आनी अवस्थांतु समान स्थान आसता, तो.**

सात्विक पुरुषालें मन स्वंयचेयी प्रलोभनाक लागून विचलित जायना. देकून सत्य हो सात्विक पुरुषालो स्थायी भाव आसता. भागवत पुराणांतु सत्यव्रत पुरुषालें कौतुक *"सत्यव्रतं सत्यपरं त्रिसत्यं सत्यस्य योनिं निहितंञ्ज सत्ये । सत्यस्य सत्यमृतसत्यनेत्रं सत्यात्मकं त्वां शरणं प्रपन्नाः ॥"* म्हण्णुं केल्लिलें आसा. असले पुरुषाले अंतःकरणांतु सत्याचो अविर्भाव आशिल्यान तागेले आचार, विचार आनी वाणि *'सत्यम् ज्ञानम् आनन्दम्'* आसताचि.

**(८७५). *सत्यधर्मपरायणः* - जो सत्य आनी धर्माचें पूर्ण सरूप आसा, तो.**

सत्य आनी धर्म हे भगवंताले दोन दोळे आसून तांतूतचि तागेले विश्वव्यापक सर्जनशीलतेचे अभिनव दर्शन जाता. साधनेपेक्षां साधक श्रेष्ठ अशिल्यान परमात्मा सत्य-धर्मापेक्षां श्रेष्ठ - सत्यधर्मपरायण आसा.

**(८७६). *अभिप्रायः* - जो भक्तांलो अंतिम लक्ष्य आसा, तो.**

सर्व विश्वांतु परमात्माशिवाय विंगड कांयी नाशिल्यान तो स्वत: स्वयं-स्फूर्त, स्वयं-साक्ष, स्वयं-प्रभावित, स्वयं-प्रामाणित आनी स्वयं-अभिप्रेत आसा. तोचि प्रमाण आनी प्रमा आसा. तोचि ध्यान आनी तोचि ध्येय आसा. देकून भक्तांले अंतिम श्रेय तागेले ज्ञान घेतिल्यानचि प्राप्त जाता.

(८७७). *प्रियार्ह:* - जो भक्तांले प्रितीचें लक्ष्य आसा, तो.
(८७८). *अर्ह:* - जो जीवनाचें परम लक्ष्य आसा, तो.

भगवंताले विश्वरूप पोळोवनुं जेन्नां अर्जुनाले काळजांतु कोलाहल निर्माण जालो तेन्नां ताका ज्ञात जालें कीं संसारांतु परमात्माशिवाय विंगड सर्व व्यर्थ आसा. देकून सर्वांनि परमात्माक पूजचें स्वाभाविक जावनुं आसा. *"कस्माच्च ते न नमेरन्महात्मन् गरीयसे ब्रह्मणोऽप्यादिकर्त्रे । अनन्त देवेश जगन्निवास त्वमक्षरं सदसत्तत्परं यत् ॥"* (गीता.११.३७). देकून नारद भक्तिसूत्रांतु भक्तिचि फलस्वरूप आसा म्हण्णुं सांगलें. श्री मध्वाचार्यांनि सुद्धां भक्ति भक्तिखातीरचि करका, भक्ति साधन नासताना लक्ष्य जावनुं आसा म्हण्णुं प्रतिपादन केल्यां.

(८७९). *प्रियकृत्* - जो भक्तांक जें प्रिय आसा तें करता, तो.
(८८०). *प्रीतिवर्धन:* - जो भाक्तांलि प्रीति वाढयता, तो.

नारदान आपण्याले भक्तिसूत्रांतु भक्तिचि व्याख्या *"सा त्वस्मिन् परम प्रेमस्वरूपा ।"* म्हण्णुं केल्या. भगवंत-भक्तांमदली भक्ति हांतूत कामुक भावना आस नासताना तांतूत केवल निर्मल प्रेमभावना आसता.

शरण आनी आश्रय हीं भागवतधर्माचिं दोन स्रोतं जावनुं आसाचि. हीं केवल निष्काम प्रेमभावनेंतूचि अभिप्रेत जाताचि. कारण भक्तिसूत्रांतु सांगिल्ले तरेन *"तदार्पिताखिलाचारता तद्विस्मरणे परमव्याकुलता ।"* - आपण्यालें सर्वस्व परमात्माक समर्पण करचेंचि सदाचरण आसून तागेले विस्मरणचि व्याकुलतेचें कारण जावनुं आसा. वास्तविक जगांतले सर्व जीव स्त्रीस्वरूप आसून केवल श्री कृष्ण पुरुष आसता. *"स एव वासुदेवोऽसौ साक्षात् पुरुष उच्यते । स्त्रीप्रायं इतरान् सर्व जगद्ब्रह्मा पुरस्सारम् ॥"*. देकून सुमंगली श्री भक्तीन देवीलागीं प्रार्थना करता *"कात्यायनी महामाये महायोगिनी आधीश्वरी । नंदगोपसुतं देवी पतिं मे कुरु ते नम: ॥"*

*विहायसगतिर्ज्योति: सुरुचिर्हुतभुग्विभु: ।*
*रविर्विरोचन: सूर्य: सविता रविलोचन: ॥ ९४ ॥*

(८८१). *विहायसगति:* - जो आकाशांतु संचार करचो पक्षि आसा, तो.

विष्णु शब्दाचो अर्थ अनेक रीतीन करचांतु येता. *विश्* - प्रवेश करचें, व्यापक जावचें, क्रियाशील जावचें इत्यादि. विष्णुलें *गिरिक्षित* हे नांव लक्षांतु दवरनुं विष्णुक उडचो पक्षी म्हण्णुं आनी ताका लागून तागेलो संबंध आकाशांतु भ्रमण करचे सूर्याबरोबर लावचांतु आयलो. विष्णु म्हळ्यार उडची पक्षी हे कल्पनेक लागून *"इन्द्रं मित्रं वरुणमग्निमाहुरथो दिव्य: स सुपर्णो गरुत्मान्"* हे विष्णु संबंधाचे नांवं ध्यानांतु येताचि. *पतङ्ग:* हे असलेंचि आनी एक नांव आसा. हे तरेन विष्णु आकाशांतु पसरिले प्रकाशाचें किरण जावनुं आसा.

(८८२). *ज्योति:* - जो स्वयं प्रकाशस्वरूप आसा, तो.

स्वयं ज्योतिस्वरूप विष्णुले अनुग्रहान भक्तांले काळजांतलो काळोख ज्योत प्रज्वलित करनुं नाश करचांतु येता. *"ज्योतिषां अपि तद् ज्योति: तमस: परम् उच्यते ।"*. प्राचीन काळापासून अध्यात्म पथावयर *अर्चिमार्ग* आनी *धूम्रमार्ग* अथवा *देवयान* आनी *पितृयानाचि* कल्पना करचांतु आयल्या. जो साधक *अर्चिमार्ग* किंवा *देवयान* आपणायता तोचि

ज्योतिर्मय सर्वव्यापी आनी सर्वग्राही ब्रह्मस्वरूप प्राप्त करता. जो धूम्रमार्ग स्वीकारता तो अज्ञान आनी तामसी प्रवृत्तींतु वावुरता.

तेचि तरेन श्री कृष्ण गीतेंतु हे दोन मार्गाचे सूचना दिता - *"यत्र काले त्वनावृत्तिमावृत्तिं चैव योगिनः । प्रयाता यान्ति तं कालं वक्ष्यामि भरतर्षभ ॥ अग्निर्ज्योतिरहः शुक्लः षण्मासा उत्तरायणम् । तत्र प्रयाता गच्छन्ति ब्रह्म ब्रह्मविदो जनाः ॥ धूमो रात्रिस्तथा कृष्णः षण्मासा दक्षिणायनम् । तत्र चान्द्रमसं ज्योतिर्योगी प्राप्य निवर्तते ॥ शुक्लकृष्णे गती ह्येते जगतः शाश्वते मते । एकया यात्यनावृत्तिमन्ययावर्तते पुनः ॥"* (८.२३-२६).

**(८८३). सुरुचिः - जो शुभ संकल्पादिकान जनांले मनाक रुचि लायता किंवा आकर्शित करता, तो.**

अंतःकरणांतु आसून सर्वांक आपण्यादिकान आकर्शित करून आशिल्यान भगवंताक कृष्ण म्हण्णुं संबोधन करताचि. *"नियमनादिना सकललोकाकर्षणात् कृष्णः"* म्हण्णुं श्री मध्वाचार्य गीताभाष्यांतु *कृष्ण* शब्दाचो अर्थ सांगताचि.

**(८८४). *हुतभुक्* - जो यज्ञांतु अर्पण केल्लिलें अन्नाचो उपभोग घेता, तो.**

परमात्मान दिलिलें परमात्माकचि परत अर्पण करचे प्रक्रियेंतु मनुष्य आपण्याले स्वतःचे अ-स्वतंत्र अस्तित्व आनी परमात्माले व्यापक अधिपत्यावयरचो विश्वास सिद्ध करता.

**(८८५). *विभुः* - जो सर्व विश्व व्यापून आसा, तो.**

*"अशरीरं शरीरेष्वनवस्थेष्ववस्थितम् । महान्तं विभुमात्मानं मत्वा धीरो न शोचति ॥"* (कठोपनिषद्) भितर भायर पसरनुं सर्व जीवांतु चैतन्य हाडचे शक्तिक *विभु* म्हणताचि. असले व्यापक परमात्माले सर्वव्यापकत्वाक लागून ज्ञानी मनुष्याले मन विचलित जायना.

**(८८६). *रविः* - जो सर्वांपासून पूजचांतु येता, तो.**

*रविः* शब्दाचो अर्थ *रूयते, स्तूयते* म्हळ्यार कोण पुजचांतु, स्तवन करचांतु येता, तो म्हण्णुं जाता. *रवि* शब्दान परामात्मान सूर्यरूपान रसग्रहण करचें कार्य संबोधित जाता. सूर्य निसर्गांतले रस ग्रहण करनुं तेंचि परत सृष्टी सृजन करचें खातीर परत करता. भक्तांनि केल्लिले पूजन-स्तवन स्वीकारनुं तांका परत अनुग्रह करचें हे भगवत्कार्याचें दर्शन जाता. *"अयमादित्यः सर्वेषां भूतानां मधु । अस्यादित्यस्य सर्वाणि भूतानि मधु । यश्चायमस्मिन्नादित्ये तेजोमयोऽमृतमयः पुरुषोऽयमेव स योऽयमात्मा । इदं अमृतं । इदं ब्रह्म । इदं सर्वं ॥"* म्हण्णुं बृहदारण्यकोपनिषदांतु भगवंतान मधु म्हळ्यार सृष्टींतलें रसग्रहण करनुं परत सृष्टींतु रससिंचन करनुं जीवांक आश्रय दिवचि आनी जीवांनि ते आश्रयान सुख पावचि नैसर्गिक प्रक्रिया स्पश्ट केल्लिली आसा.

(८८७). *विरोचनः* - जो अलौकिक रुचि निर्माण करता, तो.
(८८८). *सूर्यः* - जो सर्वांक प्रकाश दिता, तो.
(८८९). *सविता* - जो सर्व सृष्टी प्रसविता, तो.
**(८९०). *रविलोचनः* - कोणांले दोळे सूर्यातरेन प्रकाश पसरायताचि.**

जो कोण भांगराक स्पर्श करता तो भांगरान प्रभावित जाता. स्वंय भगवंताले नामसंकीर्तन जाता थंय मनुष्याले अंतःकरण भगवंताले दिकान आकर्षित जाता. भगवद्भक्तिचि रुच लागता. मनांतलि ममता नाश जावनुं वाणी निर्मळ जाता. अंतःकरणांतले सर्व विकार नाश जावनुं थंय भगवंताले आवासाचो भास जाता. सर्व जीवन आनी द्रिश्टी प्रकाशमान जाता आनी जें कांय करचांतु येता ते सर्वांतु अलौकिक प्रकाश पसरिलो अनुभवचांतु येता.

*अनन्तो हुतभुग्भोक्ता सुखदो नैकजोऽग्रजः ।*
*अनिर्विण्णः सदामर्षी लोकाधिष्ठानमद्भुतः ॥ ९५ ॥*

## (८९१). *अनंतः* - कोण अंत नाशिलें अविनशी परमतत्व आसा, तो.

परमात्मा म्हळ्यार कांय एक विशिष्ठ व्यक्ति किंवा तत्व न्हंय. परमात्मा एक अव्याहत व्हांवचो प्रवाह आसा. ते प्रवाहाक सुरवात ना, अंत ना ; जन्म ना मरण ना. तो प्रवाह केन्नांयी ना अशें आसना. जेन्नां तो दृष्टीक दीसना तेन्नां तो सुप्तावस्थेंतु आसता. विश्वाचे विस्तारांतु तागेले अस्तित्वाचि जाण घेवनुं अनुभवाचें आसता. जेन्नां विश्वप्रलय जावनुं सर्व कांय तागेल्यांतु लीन जाता तेन्नां तागेलें अस्तित्व जलरूपांतु आसता. देकून तो अव्याहत व्हांवचे जलांतु आसचो नारायण जावनुं आसा.

*"अविनाशि तु तद्विद्धि येन सर्वमिदं ततम् । विनाशमव्ययस्यास्य न कश्चित्कर्तुमर्हति ॥"* (गीता.२.१७) हे श्लोकावयर भाष्य करताना श्री मध्वाचार्य म्हणताचि *"यद्यपि नित्यत्वं जीवस्यापि अस्ति तथापि सर्वप्रकारेण अविनाशित्वं विष्णोरेवेति तुशब्दः । अनित्यत्वं देहहानिः दुःखप्राप्तिरपूर्णता । नाशचतुर्विधः प्रोक्तः तदभावो हरेः सदा । तदन्याषां तु सर्वेषां नाशाः केचिद् भवन्ति हि ॥"* दृश्य जीव-जगत् आनी अदृश्य शक्ति नित्य आसल्यारियी तांगेले अभिव्यक्त रूप नित्य नासता; ते सर्वांक व्यापून आसचो केवल तो विष्णु नित्य आनी अनंत आसता. ताका स्वरूपनाश, शरीरनाश, किंवा अपुर्णता केन्नांयी नाशिल्यान प्रलयकाळ्ांतु जषव-जगत् आनी शक्ति तागेलो आश्रय घेताचि.

भागवत पुराणांतु हे असामान्य शक्तीक अनंत म्हण्णुं संबोधन केल्यां. *"योऽनन्तशक्तिभगवाननन्तो महद्गुणत्वाद् यमनन्तमाहुः ।"*

## (८९२). *हुतभुक्* - जो अग्नि किंवा तेज स्वरूप आसा, तो.

भगवंताले स्वरूप प्राधान्यतेन अग्नि तत्वान अभिप्रेत जायत आशिल्यान ताका वैश्वानर म्हणताचि. *"अहं वैश्वानरो भूत्वा प्राणिनां देहमाश्रितः । प्राणापानसमायुक्तः पचाम्यन्नं चतुर्विधम् ॥"* (गीता.१५.१४). तो यज्ञांतु दिलिले आहुति स्वीकारनुं ते ते अभिमानी देवदेर्तेक पावयता. हे तरेन भक्तांलि इच्छा परिपूर्ण करता. तो आपण्यालि ओळख *"पुण्यो गन्धः पृथिव्यां च तेजश्चास्मि विभावसौ । जीवनं सर्वभूतेषु तपश्चास्मि तपस्विषु ॥"* (गीता.७.९) म्हण्णुं करनुं दिता. तो धर्तेंतलें पवित्र सत्व, अग्निंतलें तेज, सर्व भूतजातींतलें जीवन आनी तपस्वींले स्थैर्य आसा.

## (८९३). *भोक्ता* - जो वैश्वानररूपान सर्व भक्षण करता, तो.

छांदोग्योपनिषदांतु वैश्वानराक शरीराचें प्रतीक माननुं ते शरीराचे दिव्य हे शिर, आदित्य हे दोळे, आकाश शरीराचे धड, उदक ही कंबर, आनी पृथ्वी पाय म्हण्णुं कल्पून पूजचें ब्राह्मणांक उद्दालक अरुणि सांगता *"एते वै खलु यूयं पृथगिमेवमात्मानं वैश्वानरं विद्वांसोऽन्नमत्थ । यस्त्वेतमेवं प्रादेशमात्रमभिविमानमात्मानं वैश्वानरमुपास्ते स सर्वेषु लोकेषु सर्वेषु भूतेषु सर्वेषात्वात्मस्वन्नयति ॥"* - जर तुमिं वैश्वानर नांवाचे परमात्माक विंग-विंगड अवयवांतु पूजत नासताना हृदयाचे सीमित प्रदेशांतु आशिले परमात्माक पूजल्यार तो सर्व जगांतु, सर्व भूतजातींतु आनी सर्व आत्मांतु व्यापून आशिले श्री विष्णुलि पूजा केलिले तरेन आसा.

हे कल्पनेंक व्यापक स्वरूप दिल्यार सृष्टींतले दरएक वस्तु परमात्मालें प्रतीक म्हण्णुं मानचें लक्षांतु येवनुं यज्ञांतले होमांतु अर्ध्य प्रदान केलिलें अन्न जर चाण्डालाक दिलें तरी ते अखेरीक परमात्माकचि पावता म्हळ्ळे विश्वासान ताका पाप लाग ना. *"तस्माद् हयेवंवित् यद्यपि चंण्डालायोच्छिष्टं प्रयच्छेत् आत्मनि हयैवास्य तत् वैश्वानरे हुतं स्यादिति ॥"* (छांदोग्तोपनिषद)

देकून सर्वांतर्यामी परमात्मा सर्व भोक्ता आसा.

## (८९४). *सुखदः* - जो सर्वांक सुख प्रदान करता, तो.

सर्वव्यापी विष्णु म्हण्णुं माननुं वैश्वानरालि उपासना केलिले साधकाक आपण्याले कर्म यथार्थ रीतीन पूर्ण केलिलें परम सुख आनी आनंद प्राप्त जाता. *"यथेह क्षुधिता बालाः मातरं पर्युपासते । एवं सर्वाणि भूतान्यग्निहोत्रमुप.,ते ॥"* (छांदोग्योपनिषद)

**(८९५). नैकजः - जो अनेक जन्म धारण करता, तो.**

परमात्मान अजन्मा आशिल्यान वास्तविक ताका मनुष्याले तरेन जन्म-मरण ना. देकून ताणें जन्म घेवचें म्हळ्यार प्रकृतीचो निमित्त करनुं शरीर धारण करचें. *'प्रकृतिं स्वामधिष्ठाय' 'सम्भवात्ममायया' 'धर्म संस्थापनार्थाय' 'परित्राणाय साधूनां विनाशाय च दुष्कृताम्' 'युगे युगे' - असलि परिभाशा वापरचांतु येता.* तागेले जन्माचे रहस्य श्री कृष्णचि स्पश्ट केल्यां. *"बहूनि मे व्यतीतानि जन्मानि तव चार्जुन । तान्याहं वेद सर्वाणि न त्वं वेत्थ परंतप ।। अजोऽपि सन्नव्ययात्मा भूतानामीश्वरोऽपि सन् । प्रकृतीं स्वामधिष्ठाय सम्भवाम्यात्ममायया ।।"* (गीता.४.५-६)

*'प्रकृतिं स्वां अधिष्ठाय'* म्हळ्यार प्रकृतिपासून जन्माक आयिले देवकी-वसुदेवांलो आश्रय घेवनुं. *'आत्ममायया'* म्हळ्यार स्वतःचे ज्ञान आनी शक्तिन. किंबहुना *"सृष्टिकारणतया तेषां शरीरादि सृष्ट्वाविमोहिक्या अजात एव जात इव प्रतीयते वा"* - सृष्टिनियमानुसार प्राकृतिक शरीर निर्माण करनुं थंय तो आपण्याले अस्तित्व अभिप्रेत करता. देकून *'अज'* आसूनची तो शरीरांतु जन्म घेतिले तरेन दिसता आनी तागेले विंग-विंगड अवतार विंग-विंगड जन्म जशें आसाचि.

**(८९६). *अग्रजः* - जो आपण्यालें अस्तित्व पयलें प्रथम जाण करता, तो.**

परमात्माले अस्तित्वाचो उल्लेख पयलें प्रथम ऋग्वेदांतु दिसून येता *"नासदासीन्नो सदासीत्तदानी नासीद्रजो नो व्योमा परो यत् । . . . आनीदवातं स्वधया तदेकं तस्माद्धान्यन्न परः किं चनास ।।"* आनी *"हिरण्यगर्भः समवर्तणाग्रे भूतस्य जातः पतिरेक आसीत् ।"* उपनिषदांतु *"ब्रह्म वा इदमग्र आसीत् ।"* म्हण्णुं सांगचांतु आयलें.

वैदिक वाङ्मयांतु जेन्नां अपरोक्षानुभव शब्दमुखांतर अभिप्रेत जावचांतु आयलो तेन्नां हें अनिर्वचनीय *'तद् एकम्'* जनमानसांतु नाम-रूप धारण करनुं कर्मी जास्त शक्तीन व्यक्त जाता. देकून वेदांतलें *'तद् एकम्'*, *'एकमेव'* आनी *'अ-द्वितीय'* असले परमात्म तत्व दर एक अंशांतु कर्मी जास्त शक्तीन अभिप्रेत जावनुं पूजचांतु आयलें. आनी हे तरेन चिंतन करताना साधकाक कसलेयी बाधा किंवा आतंक, शंका येना.

*'तद् एकम्'* - कोणाक श्रुति-स्मृतींतु श्रीमन्नारायण म्हण्णुं उल्लेख करचांतु आयलें, तो एकचि *अग्रज*, पयले प्रथम दर्शन जालिली दैवी शक्ति आसा. ताकाचि *ब्रह्मन्, विष्णु, वासुदेव* इत्यादि वर्णनात्मक किंवा स्वरूपात्मक नांवं दिवचांतु आयलिं.

**(८९७). अनिर्विण्णः - कोणांक केन्नांयि दुःख ना, तो.**

जो सर्व सृष्टीचो निर्माता, नियंता आनी विनाशक आसा ताका स्वंयचान आनी कोणापासून भंय आसतालें ? सदा सर्वदा सुखस्वरूप आशिल्याक दुःखाचो अंश स्वंयचान येतालो ? सर्व तरेन प्रकाशित आशिले सूर्याक काळेखाचो स्पर्श कशें जातालो ? पारिजाताचे बागेंतु दुर्गंधाक वाव स्वंयचान आसतालो ?

**(८९८). *सदामर्षि* - जो सदा सहनशील आसता, तो.**

स्वंय प्रतिस्पर्धा आसता थंय संघर्ष आसता. जेन्नां परमात्मा एकचि स्वतंत्र आसून दुसरे सर्व अस्वतंत्र आसून तागेले आधीन आसाचि, तागेले तेज आनी शक्तिक लागून प्रेरित जाताचि तेन्नां ताका जीवसमूहांकडचान अ-समज आनी अज्ञानाक लागून जावचि चूक सहन करचें आनी तांगेले प्रति करुणा आनी दया दाखोवचि पडता. *'परित्राणाय साधूनाम् विनाशाय दुकृताम्'* म्हळ्यार साधू जनांले काळ्ज्जांतलें अज्ञान नाश करनुं थंय ज्ञानाचें बींय पेरचें आसता. जेन्नां दानवांलो सहवास सोडनु देवालो सहवासाचो हावेस मनुष्य धरता तेन्नां तागेले काळजांतु भगवंताले अनुग्रहाचो बींय अंकुर पावलें म्हण्णुं मानचाक जाय. *"सर्वोत्तम इति ज्ञातो विष्णुर्मोक्षमिमं नयेत् . . . विष्णोर्दासतया विष्णोः सामिप्यं मोक्ष उच्यते ।"* (श्री मध्वाचार्य).

(८९९). लोकाधिष्ठानम् - जो सर्व लोकांचे आधार स्वरूप जावनुं आसाछ तो.

श्री मध्वाचार्य प्रतिपादन करताचि कीं *"स स्रष्टा चैव संहर्ता नियंता रक्षिता हरिः । तेन व्याप्तमिदं सर्वमैतदात्म्यमतो विदुः ॥ स आत्मा पूर्णगुणतः स सूक्ष्मः सर्वगः सदा । सर्वोत्तमत्वात् सत्यं . . . ॥"* (बृहदारण्यकोपनिषद्भाष्य). *"प्रधानश्च स्वतंत्रश्च तन्मूलमखिलम् जगत् । तदाधारं विमुक्तौ च तदधीनं सदा स्थितम् ॥ स सूक्ष्मो व्यापकः पूर्णः तदीयमखिलं जगत् ।" (गीताभाष्य).*

(९००). *अद्भुतः* - जो अद्वितीय आनी विस्मयकारक आसा, तो.

कोणांक्यी द्रिष्टीक न पडचें, पडल्यार आदि अंताचे ताळ-मेळ ना लागचे स्वरूप पोळोवनुं अर्जुन उद्गार काडता *"अदृष्टपूर्वं हृषितोऽस्मि दृष्ट्वा भयेन च प्रव्यथितं मनो मे । . . ."* (गीता११.४५) तेन्नां भगवान ताका सांगता की केवल तागेले अनुग्रहाक लागून तागेले दार्शन जावचें साध्य जाल्यां. *"मया प्रसन्नेन तवार्जुनेदं रूपं परं दर्शितमात्मयोगात् । तेजोमयं विश्वमनन्तमाद्यं यन्मे त्वदन्येन न द्रष्टपूर्वम् ॥"* (गीता.११.४७). कठोपनिषदांतु सांगल्यां *"श्रवणायापि बहुभिर्या न लभ्यः शृण्वन्तोऽपि बहवो यं न वियुः । आश्चर्यो वक्ता कुशलोऽस्य लब्धा आश्चर्यों ज्ञाता कुशलानुविष्टः ॥"*

*सनात्सनातनतमः कपिलः कपिरप्ययः ।*
*स्वस्तिदःस्वस्तिकृत्स्वस्ति स्वस्तिभृक्स्वस्तिदक्षिणः ॥ ९६ ॥*

(९०१). *सनात्* - जो कालाचे पेल्तडेन आसा, तो.

सृष्टी निर्माणाचे नंतरचि कालाचें गणीत करचांतु येता. कारण तार्जे पयलें केवल परमात्मा आसता आनी कालाचे प्रभावान विश्वनिर्माण कार्य उर्क्ते करता. *"कालोऽयं परमाण्वादिर्द्विपरार्धान्त ईश्वरः । नैवेशितुं प्रभुर्भूम्न ईश्वरो धायमानिनाम् ॥ . . .तदाहुरक्षरं ब्रह्म सर्वकारणकारणम् । विष्णोर्धाम परं सक्षात्पुरुषस्य महात्मनः ॥"* जे कोण आपण्यालें शरीराबरोबर संबंध बांधताचि तांका परमाणुपासून परार्धा पर्यंत पसरिलो काल आपण्याले आधीन करता ; सर्वव्यापी परमात्माक न्हंय. सर्वांलो कारण जावनुं अशिलो काल नित्य आनी अविनाशी परब्रह्म जावनुं आसा. *"विश्वं वै ब्रह्मतन्मात्रं संस्थितं विष्णुमायया । ईश्वरेण परिच्छिन्नं कालेनाव्यक्तमूर्तिना ॥"* - विष्णुले अलौकिक मायाशक्तिक लागून हें विश्व अस्तित्वांतु आयलें आनी कालाचे माध्यमांतल्यान तें वेगळे स्वरूपांतु दवरचांतु आयलें. सर्व निर्माण जालिले जीव-जगतांतु प्रवेश करनुं काल आश्रय दीवनुं तांका वश करता. वास्तविक काल विंगड कोर्णीयी नासताना, यज्ञाचो अधिपति श्री विष्णूचि आसा - *"योऽन्तः प्रविश्य भूतानि भूतैरत्यखिलाश्रयः । स विष्ण्वाख्योऽधियज्ञोऽसौ प्रमत्तं जनमन्तकृत् ॥"*

(९०२). *सनातनतमः* - जो सनातन कालापेक्षां श्रेष्ठ आसा, तो.

परमात्मा सनातन कालापेक्षां श्रेष्ठ आसा. ते स्थितींतु कसलोयी आंतरिक भेद नाशिल्यान परमात्माली ती स्थिती अच्युत परम पद आसा.

(९०३). *कपिलः* - जो तेज आनी किरणांचो समूह आसा, तो.
(९०४). *कपिः* - जो सूर्यातरेन प्रकाश पसरायता, तो.

कपिल नांवान *सांख्य* दर्शनकार मुनीलो उल्लेख नासताना सूर्य किरणांचो संकेत केलिलो आसा. जे तरेन सृष्टींतु सूर्याचि किरणं जलाचे शोषण, सिंचन आनी पोषण करताचि ते तरेन परमात्मा आपण्यालें तेज जीवांतु सिंचन करनुं पोषण आनी अखेरीक शोषण करता. ही प्रक्रिया सतत चलत आसून ती केन्नांयी खंडित जायना. देकून हे प्रक्रियेक उदकाचे प्रवाहाचि उपमा दिवचांतु येता.

*"कं जलं रश्मिभिः पिबन् कपिः सूर्यः ।"* देकून सूर्याक कपि ही संज्ञा प्राप्त जाल्या.

**(९०५). *अप्ययः* - जो प्रलयाचे समय सर्वांचे शोषण करता, तो.**

सृष्टी निर्माण जाले पासून शक्ति आनी तेजाचे सिंचन जीव-जगणांतु जायत आसता. पोषण- शोषणाचें कालचक्र निरंतर आनी अव्याहत पुण सीमित आनी नियंत्रित प्रमाणान चलत आसता. प्रलय कालाचे संदर्भांतु भगवंत आपण्याले कार्याक नवी दिशा दिता. तेन्नां सृष्टींतु अभिप्रेत जालिलें सर्व जीव-जगत् तांग-तांगल्यांतु तारतम्यान प्रसवित जालिले शक्तिसयत परत परमात्माले अनंत आनी अविभाज्य अव्यक्त स्वरूपांतु - जे तरेन अनेक नद्यो सागरांतु मेळ्ताचि ते तरेन - परत लीन जाताचि. ते जीव लीन जालिले अवस्थेंतु सुद्धां आपण्याले भिन्न अस्तित्व, स्वरूप आनी तारतम्याचो त्याग करत नासताना आप-आपण्याले संभाव्य शक्तिसयत, नित्य आनी निरंतर सुप्तावस्तेंतु आसताचि. हे तरेन परमात्मा सर्व जीव, जगत् आनी शक्तिंचो केन्द्र आनी आश्रय स्थान जावनुं आसा.

(९०६). *स्वस्तिदः* - जो कल्याण प्रदान करता, तो.
(९०७). *स्वस्तिकृत्* - जो जीव-जगत्चे कल्याणाचे संकल्प करता, तो.
(९०८). *स्वस्ति* - जो स्वतः कल्याणस्वरूप आसा, तो.
(९०९). *स्वस्तिभुक्* - जो कल्याणकर्मांचो भोग घेता, तो.
(९१०). *स्वस्तिदक्षिणः* - जो कल्याण प्रदान करचाक सदा उत्सुक आसता, तो.

हीं सर्व नांवं परमात्माले पावनकारी, मङ्गल आनी स्वस्ति स्वरूप दर्शन करताचि. *"स्मरणादेव देवस्य सिध्यन्ति सर्वसिद्धयः । स्मृते सकलकल्याणभाजनं यत्र जायते । पुरुषस्तमजं नित्यं व्रजामि शरणं हरिम् । स्मरणादेव कृष्णस्य पापसङ्घातपञ्जरम् । शतधा भेदमायाति गिरिर्वज्रहतो तथा ॥"* तागेलें स्मरण केलिल्यान सर्व कार्य सिद्धीक पावता, सर्वांक कल्याण जाता. देकून सर्वांनि ते सर्वोत्तम परमात्माले शरण वचका. तशें केलिल्यानचि कठीणांतु कठीण पर्वतांचे तुकडे तुकडे जालिले तरेन मनुष्याले पापं चूरचूर जाताचि.

*अरौद्रः कुण्डलो चक्रो विक्रम्यूर्जितशासनः ।*
*शब्दातिगः शब्दसहः शिशिरः शर्वरीकरः ॥ ९७ ॥*

**(९११). *आरौद्रः* - कोणांले रूप भक्तांखातीर भयंकर नासता, तो.**

परमात्मालो प्रकोपांतु सुद्धां वरदानाचो अनुग्रह आसता. नारसिंहाले उग्ररूपांतुबी तागेलें श्रीवरदस्वरूप सर्वांक दिसून आयलें. देकून अज्ञानरूपी संसारांतल्यान रक्षण जाचाक नारसिंहाले प्रकोपाचें स्मरण करचांतु येता. *"सर्वे ह्यमी विधिकरास्तव सत्वधाम्नो ब्रह्मादयो वयमिवेश न चोद्विजन्तः । क्षेमाय भूतय उतात्मसुखाय चास्य विक्रीडितं भगवतो रुचिरावतारैः ॥ . . . लोकाश्च निवृत्तिमिताः प्रतियन्ति सर्वे रूपं नृसिंहं विभयाय जनाः स्मरन्ति ॥"* जेन्नां नारसिंहाले उग्र रूप पोळोवनु मन विचलित जालिले देवगण आनी लक्ष्मीदेवा तागेले मुखार वच्चाक भीयेताचि तेन्नां भक्तशिरोमणी प्रह्लादाक परमसांत्वन सरूपाचो अनुभव जाता.

वामन अवतारांतु गर्वहरण जावनुं दैवी शक्ति जागृत जालिलो बलिचक्रवर्ति उद्गार काडता *"पुंसां श्लाघ्यतमं मन्ये दण्डमर्हत्तमार्पितम् । यं न माता पिता भ्राता सुहृदश्चादिशन्ति हि ॥ त्वं नूनमसुराणां नः पारोक्ष्यः परमो गुरुः । यो नोऽनेकमदान्धानां विभ्रंशं चक्षुरादिशत् ॥"* - मनुष्यालें महान् भाग्य तेन्नांचि उजळ जाता जेन्नां एक महामानवाले हातांतल्यान शिक्षा येळ्ता. असले कार्य आवय, बापय, भाव किंवा मित्रांकडचान शक्य जायना. शत्रु रूपांतुबी भगवंत भक्तांलो श्रेष्ठ हितचिंतक आसा. अहंकारान ग्रस्त जालिले आमगेले मनांतु परमात्माले कृपाद्रिश्टीक लागून भक्तिचे बींय पेरचांतु येता.

**(९१२). *कुण्डली* - कोणें कानांतु कुण्डलं धारण केल्यांचि, तो.**

विराट पुरुषाले कान म्हळ्यार दिशा म्हण्णुं कल्पून तागेले कानांतले कुंडलांक *"बिभर्ति सांख्यं योगं च देवा मकरकुण्डले"* सांख्य आनी योगाचि उपमा दिलिली आसा. जेन्नां सूर्य मकर राशींतु प्रवेश करता तेन्नां *उत्तरायण* प्रारंभ जाता आनी सृष्टींतु नवजीवन संचार जाता.

## (९१३). *चक्री* - कोणं हातांतु चक्र धारण केल्यां, तो.

सुदर्शन हें कालचक्राचे आनी तेजाचें प्रतीक आसून भगवंतालि अविरत सर्जनशक्तिचें सु-दर्शन आनी सुखद साक्षात्कार आसा. जेन्नां महाभक्त अम्बरीष श्री हरीले भक्तिक लागून आपण्यालें सर्वस्व परमात्माले चरणांतु समर्पण करता तेन्नां तागेलें संरक्षण करचे खातीर श्री विष्णु स्वतः आपण्यालें सुदर्शन चक्र तागेले स्वाधीन करता. *"तस्मा अदाद्धरिश्चिकं प्रत्यनीकभयावहम् । एकान्तभक्तिभावेन प्रीतो भृत्याभिरक्षणम् ॥"*

## (९१४). *विक्रमी* - कोण अतुल पराक्रम करता, तो.

परमात्माले पराक्रमाक सीमा किंवा उपमा ना. तागेले तरेन शक्तिमान आनी पराक्रमी विंगड कोणिंयी नाशिल्यान जेन्नां संसारावयर संकटांचो भार पडता तेन्नां सर्व देव आनी मानव भगवंता दिकान धांव घेताचि.

## (९१५). *ऊर्जितशासनः* - कोणांले नियंत्रण उत्तम श्रेणीचें आसता, तो.

भगवंताक शरण गेलिलो स्वयचोयी जीव अवनतीक वचना. पुण ही शरणागतीचि भावना पुर्ण आनी अहेतुक आसचाक जाय. वास्तविक भगवंताले स्मरण जावचेंचि शरणागतीचें पयले पावूल आसता. देकून भगवद्भक्ति करचे भक्ताक आपूण केन्नांयी अंतरना, म्हण्णुं परमात्मान परत परत आश्वासन दिलिलें आसा. *"यो यो यां यां तनुं भक्तः श्रद्धयार्चितुमिच्छति । तस्य तस्याचलां श्रद्धां तामेव विदधाम्यहम् ॥"* *"अपि चेत् सुदुराचारो भजते मामनन्यभाक् । साधुरेव स मन्तव्यः सम्यग्व्यवसितो हि सः ॥ क्षिप्रं भवति धर्मात्मा शश्वच्छान्तिं निगच्छति । कौन्तेय प्रतिजानीहि न मे भक्तः प्रणश्यति ॥"*(गीता.७.२१ आनी ९.३०-३१).

## (९१६). *शब्दातिगः* - कोणांले वर्णन शब्दांतल्यान जायना, तो.

असले महान् परमात्मालें वर्णन शब्दान जायना. *"यतो वाचो निवर्तन्ते अप्राप्य मनसा सह ।"* म्हण्णुं उपनिषद शब्दाचि असमर्थता दाखयता. तागेलें अस्तित्व स्वयंसिद्ध आनी स्वयंप्रकाशित आशिल्यान 'तो आसा' म्हळ्ळे शिवाय तागेलें अस्तित्वाचें ज्ञान प्राप्त जावचें साध्य ना. देकून कठोपनिषदांतु सांगचागतु आयल्या *"नैव वाचा न मनसा प्राप्तुं शक्यो न चक्षुषा । अस्तीति ब्रुवतोऽन्यत्र कथं तदुपलभ्यते ॥"*

## (९१७). *शब्दसहः* - कोणांले स्वरूप शब्दसमान आसा, तो.

परमात्मा शब्दाचे पेलतडेन आसल्यारियी शब्द तागेलें पूर्णत्व सिद्ध करुं शकनाशिले तरी शब्द माध्यम म्हण्णुं स्वीकारले शिवाय ताजें ज्ञान प्राप्त जावचें साध्य ना. देकून अपरोक्ष ज्ञान जालिले ऋषी आप-आपण्याले योग्यतानुसार आप-आपण्याले दर्शनाचे वर्णन करचाक प्रयत्न करताचि. शब्दाचि सीमा आनी मर्यादा आनी शब्दांवयर ऋषी ऋषींमदें आसचें वैयक्तिक वैचारिक सामर्थ्य जाणून आमीं तांगेले शब्दांतलें हे वर्णन स्वीकारका.

शाब्दिक परिभाषेंतु फरक दिसल्यारियी ऋषींले प्राथमिक दर्शनांतु फरक आसचे साध्य ना. ते सर्वांक एकचि सत्याचो अविष्कार जालिल्यान दर्शनांतु आनी शब्दांतु एक अद्वितीय सादृश्य अनुभवचांतु येता आनी विष्णुलें गुण आनी स्वरूपांतु भेद आसना ते तरेन तागेले मूल स्वरूप आनी नावांतुबी भेद दीसना. *"गुणक्रियादयो विष्णोः स्वरूपं नान्यदिष्यते । अतो मिथोऽपि भेदो न तेषां क्वचित् कदाचन ॥ स्वरूपेऽपि विशेषोऽस्ति स्वरूपत्ववदेव तु । भेदभावेऽपि तेनैव व्यवहारश्च सर्वतः॥"* (मध्वाचार्य - विष्णुतत्वनिर्णय) - विष्णुले गुणं आनी कार्य तागेले स्वरूपचि जावनुं आसाचि. ते

तागेले किंवा आप-आपसांतु व्यतिरिक्त नांचि. जरी तीं नावं तागेले पासून भिन्न नांचि तरियी व्यवहाराक लागून तांका विशेष रीतीन दास्वोवचांतु येताचि.

## (९१८). *शिशिरः* - जो भक्तांले आत्माक शांति आनी समाधान प्रदान करता, तो.

परमात्माले कारुण्यभावनेक सीमा ना. भक्तांले साधनेक उपयोजक असलि निष्ठा ताणें पुरातन कालापासून निर्धार करनुं दिलिली आसा. गीतेंतु ताणें अनेक उग्रांनि भक्तांविषय आपण्यालि निष्ठा स्पश्ट केलिली आसा. *"लोकेऽस्मिन् द्विविधा निष्ठा पुरा प्रोक्ता मयानघ । . . . सहयज्ञाः प्रजाः सृष्ट्वा पुरोवाच प्रजापतिः । . . . यदा यदा हि धर्मस्य ग्लानिर्भवति भारत । अभ्युत्थानमधर्मस्य तदात्मानं सृजाम्यहं ॥ . . . चातुर्वर्ण्यं मया सृष्टं गुणकर्मविभागशः । . . . यो मां पश्यति सर्वत्र सर्वं च मयि पश्यति । तस्याहं न प्रणश्यामि स च मे न प्रणश्यति ॥ . . . यो यो यां यां तनुं भक्तः श्रद्धयाचिंतुमिच्छति । तस्य तस्याचला श्रद्धां तामेव विदधाम्यहम् ॥ . . . पत्रं पुष्पं फलं तोयं यो मे भक्त्या प्रयच्छति । तदहं भक्त्युपहृतमश्नामि प्रयतात्मनः ॥ . . . क्षिप्रं भवति धर्मात्मा शाश्वच्छान्तिं निगच्छति । कौन्तेय प्रतिजानीहि न मे भक्तः प्रणश्यति ॥ . . . सर्वारंभपरित्यागी यो मद्भक्तः स मे प्रियः । . . . भक्त्या मामभिजानाति यावान्यश्चास्मि तत्वतः । ततो मां तत्वतो ज्ञात्वा विशते तदनन्तरम् ॥ . . . तमेव शरणं गच्छ सर्वभावेन भारत । तत्प्रसादात्परां शान्तिं स्थानं प्राप्यसि शाश्वतम् ॥ . . . मन्मना भव मद्भक्तो मद्याजि मां नमस्कुरु । मामेवैष्यसि सत्यं ते प्रतिजाने प्रियोऽसि मे ॥ सर्वधर्मान्परित्यज्य मामेकं शरणं व्रज । अहं त्वा सर्वपापेभ्यो मोक्षयिष्यामि मा शुचः ॥"* (गीता.३.३; ३.१०; ४.७; ४.१३; ६.३०; ७.२१; ९.२६; ९.३१; १२.१६; १८.५५; १८.६२; १८.६५-६६).

देकून श्री विष्णुले नामजपाचें महत्व आनी तार्जे कल्याणदायक फलाचे गुणं पुराणादि ग्रथांतु विस्तारायल्यांचि. *"हरिर्हरति पापानि दुष्टचित्तैरपि स्मृतः । अनिच्छयापि संस्पृष्टो दहत्येव हि पावकः"* - इच्छा नासल्यारियी हरिनामस्मरण पाप हरण करता, जे तरेन अग्नि सर्व भस्मीभूत करता. *"हरेर्नामैव नामैव नामैव मम जीवनम् । कलौ नास्त्येव नास्त्येव नास्त्येव गतिरन्यथा ॥"* - हरीले नांवातसले विंगड जीवन ना ; हे कलिकालांतु दुसरी स्वंयचेयी गति ना. *"अतसीपुष्पसंकाशं पीतवाससमच्युतम् । ये नमस्यन्ति गोविन्दं न तेषां विद्यते भयम् ॥" . . . "संसारसर्पसंदष्टानष्टचेष्टैकभेषजम् । कृष्णेति वैष्णवं मन्त्रं श्रुत्वा मुक्तो भवेन्नरः ॥" "सर्वदा सर्वकार्येषु नास्ति तेषाममङ्गलम् । येषां हृदिस्थो भगवान् मङ्गलायतनं हरिः ॥"*

## (९१९). *शर्वरीकरः* - जो जीवसमूहांक काळरात्रींतु समावेश करता.

परमात्मालें *शर्वरी* नांवाचे सातत्य समजचाक मनुष्यालि द्रिश्टी व्यापक आसचाक जाय. *शर्वरी* म्हळ्यार रात्र आनी ताका संबंधित आसचो काळोख. प्रत्येक जीव आप-आपण्याले तरेन स्वतंत्र आनी जीव-जीवांतलो फरक तांग-तांगेले त्रिगुणांचे प्रभावाक लागून आसता. पुण मनुष्य सामान्यतः इन्द्रियासक्त आशिल्यान ताका आपण्याले नाशवंत शरीर आनी अविनाशी आत्मांतलो निज संबंधाचे अज्ञान आसता आनी आपण्याले शरीरचि आपण्याले कर्माचें सूत्र चलयता म्हण्णुं मानता. *"प्रकृते क्रियामाणानि गुणैः सर्वशः । अहङ्कारविमूढात्मा कर्ताहमिति मन्यते ॥"* (गीता.३.२७) आनी आपण्याले अंतरात्मांतु आशिले प्रेरक शक्तिचो ताका विसर पडता. जेन्नां ताका खरें ज्ञान मेळ्ता तेन्नां तो आपण्याले इन्द्रियांवयर नियंत्रण दवरता. *"यदा संहरते चायं कूर्मोऽङ्गानीव सर्वशः । इन्द्रियाणीन्द्रियार्थेभ्यस्तस्य प्रज्ञा प्रतिष्ठिता ॥"* (गीता.२.५८). असले ज्ञानी मनुष्य अलौकिक प्रतिभेचे आसताचि. *"उदाराः सर्वे एवैते ज्ञानी त्वात्मैव मे मतम् । आस्थितः स हि युक्तात्मा मामेवानुत्तमां गतीम् ॥ . . . वासुदेवः सर्वमिति स महात्मा सुदुर्लभः ॥"* (गीता. ७.१८-१९). जो मनुष्य परमात्माले शरण वता तो तांगेले जीवनांतु प्रकाश पसरायता. *"यो मां पश्यति सर्वत्र सर्वं च मयि पश्यति । तस्याहं न प्रणश्यामि स च मे न प्रणश्यति ॥"* (गीता. ६.३०)

पुण जे मनुष्याले जीवन रात्रि तरेन काळोखान आवरण जालिलें आसता, ताका कर्म म्हळ्यार कसलें, अकर्म म्हळ्यार कसलें, विकर्माचे स्वरूप कशीं आसता हें समज ना. आनी तागेले जीवन अंधःकारान आवरण जालिलें आसता.. जो मनुष्य हें ज्ञान प्राप्त करता ताका सर्व कांय प्रकाशातरेन स्पश्ट जाता. नासल्यार दिवसांतु सुद्धां ताका रात्र तरेन भास जाता. *"या निशा सर्वभूतानां तस्यां जागर्ति संयमी । यस्यां जाग्रति भूतानि सा निशा पश्यतो मुनेः ॥"*. (२.६९). असलो महान् जीव प्रलय कालानंतरवी श्रीमन्नारायणाले उदरांतु ज्ञानप्रकाशांतु वावुरता.

*अक्रूरः पेशलो दक्षो दक्षिणः क्षमिणांवरः ।*

*विद्वत्तमो वीतभयः पुण्यश्रवणकीर्तनः ॥ ९८ ॥*

(९२०). *अक्रूरः* - जो कोणांले प्रति क्रौर्य किंवा द्वेश करना, तो.

भगवंतान गीतेंतु मनांतु द्वेश आनी क्रौर्याक जन्म दिवचें कारण *"अथ केन प्रयुक्तोऽयं पापं चरति पुरुषः । अनिच्छन्नपि वार्ष्णेय बलादिव नियोजितः ॥"* (३.३६) अर्जुनाले हे प्रश्नयाक उत्तर म्हण्णुं दिल्यां. *"काम एष क्रोध एष रजोगुणसमुद्भवः । महाशनो महापाप्मा विद्ध्येनमिह वैरिणम् ॥"* (३.३७). राजस आनी तामस गुणांक लागून मनुष्यालि तृष्णा अनियंत्रित जाता आनी जेन्नां ती शान्त जायना तेन्नां तागेले मनांतु क्रोध उत्पन्न जाता म्हण्णुं सांगल्यां. *"ध्यायतो विषयान्पुंसः सङ्गस्तेषूपजायते । सङ्गात्संजायते कामः कामात्क्रोधोऽभिजायते ॥ क्रोधाद्भवति संमोहः संमोहात्स्मृतिविभ्रमः । स्मृतिभ्रंशाद् बुद्धिनाशो बुद्धिनाशात्प्रणश्यति ॥"* (२.६२-६३).

पुण परमात्म सर्वतृप्त आनी गुणातीत आशिल्यान ताका असले कामना किंवा तृष्णा नासता. *"न मे पार्थास्ति कर्तव्यं त्रिषु लोकेषु किञ्चन । नानावाप्तव्यं वर्त एव च कर्मणि ॥"* (३.२२). ताका प्राप्त करचें कांयी ना, मेळेंना म्हण्णुं मोह ना, स्पर्धा ना, खंत ना, क्रोध ना, क्रौर्य ना.

(९२१). *पेशलः* - जो सुंदर आनी कोमल शरीराचो आसा, तो.

परमात्माले शरीराचे अंग-अंग कोमल आनी सुंदर आसताचि. देकून ते सर्वांक कल्याणप्रद आसताचि.

(९२२). *दक्षः* - जो भक्तांले कल्याणाखातीर सदा जागरूक आसता, तो.

जीवसमूहांचे आध्यात्मिक विकास जावचे खातीर परमात्म सृष्टी आनी संसाराचि येवजण करता. *"तस्योदरस्थजगतः सदमंदसांद्रस्वानंदतुष्टवपुषोऽपि रमारमस्य । भूतै निजाश्रितजनस्य हि सृज्यसृष्टावीक्ष्वा बभूव परनामनिमेषकांते ॥"* - आपूण स्वतः निर्दोष, परिपूर्ण, सर्वव्याप्त, आनी स्वरूपभूत असले आनंदान संतृप्त आसल्यारियी आपण्याक आश्रय करनुं आशिले जीवगणांले कल्याण करचे खातीर सृष्टींतु योग्य ते वस्तु निर्माण करता म्हण्णुं भागवत तात्पर्य निर्णयांतु सांगिल्लें आसा. भक्तांले हिताचे चिंतन करचें हे भगवंताक साहजिक जालिल्यान तो सदा दक्ष आसता.

(९२३). *दक्षिणः* - जो आपण्याले कर्तुत्वांतु कुशल आनी जागरूक आसा, तो.

परमात्माले कौशल्याचो अनुभव भक्तांक पदोन् पदीं येत आसून ते गद्गद स्वरान उद्गार काडताचि *"यतः सर्वाणि भूतानि भवन्त्यादियुगागमे । यस्मिंश्च प्रलयं यान्ति पुनरेव युगक्षये ॥ विष्णुं जिष्णुं महाविष्णुं प्रभविष्णुं महेश्वरम् । अनेकरूपं दैत्यान्तं नमामि पुरुषोत्तमम् ॥"*

(९२४). *क्षमिणांवरः* - जो भक्तांलि चूक क्षमा करचांतु उदार मनाचो आसा, तो.

भक्तांले अभिष्टचिंतन करचो भगवान आपण्याले सुहृद जावनुं आशिले जीवात्मान चूक केल्यार क्षमा करनासताना कशीं आसतालो ? तांगेले जीवनाचि गती सत्पथावयर आसका म्हण्णुं तो सदा दक्ष आसता. *"ये यथा मां प्रपद्यन्ते तांस्तथैव भजाम्यहं"* म्हण्णुं तो सांगता. जेन्नां अर्जुन म्हणता *"चञ्चलं हि मनः कृष्ण प्रमाथि बलवद् दृढम् । तस्याहं निग्रहं मन्ये वायोरिव सुदुष्करम् ॥"* तेन्नां कृष्ण ताका सांत्वन करता *"असंशयं महाबाहो मनो दुर्निग्रहं चलम् । अभ्यासेन तु कौन्तेय वैराग्येण च गृह्यते ॥ असंयतात्मना योगो दुष्प्राप्य इति मे मतिः । वश्यात्मना तु यतता शक्योऽवाप्तुमुपायतः ॥"*

ल्हान एक चेरडाक समजूत घातिले तरेन कृष्ण समजावनुं सांगता. मन चंचल आसा. पुण अभ्यासान तें नियंत्रणेंतु हाडचें साध्य आसा. हे तरेन भक्तांलि क्षमता जाणून तांगेलि चूक क्षमा करचें काम आवय-बापय तसलो परमात्मा कर नासल्यार आनी कोण करु शक्तालो ?

**(९२५). *विद्वत्तमः* - जो विद्वानांतु श्रेष्ठ आसा, तो.**
**(९२६). *वीतभयः* - कोणांक केन्नांयि भय ना, तो.**

जें विद्यास्वरूप आसता तें सदा सर्वदा विद्यमान, अस्तित्वांतु आसता. तो अविनाशी आशिल्यान ताका मृत्युचे भय आसना. अज्ञान हेंचि मृत्यु आसा. ज्ञान हेंचि अमृतपद आसा. जें अमृतपद आसता तेंचि अभयपद आसता. देकून उपनिषदांतलो साधक सामगान करता - *"असतो मा सद्गमय । तमसो मा ज्योतिर्गमय । मृत्युर्माऽमृतं गमय ।"* हे मंत्रांतु असत् म्हळ्यार दुःखस्वरूप मृत्यु; सत् म्हळ्यार आनंदरूप अमृत. तमस म्हळ्यार अज्ञानरूपी मृत्यु; ज्योति म्हळ्यार ज्ञानस्वरूप अमृत. मृत्यु म्हळ्यार मरण आनी अमृत म्हळ्यार मोक्ष. *"तं वेद्यं पुरुषं यथा मा वो मृत्युः परिव्यथा इति ।"* - ते जाणचे तसले पुरुषाक मृत्यु पीडा करना.

**(९२७). *पुण्यश्रवणकीर्तनः* - कोणांले नावांचे श्रवण आनी संकीर्तन केलिल्यान पुण्य मेळ्ता, तो.**

बृहदारण्यकोपनिशदांतु म्हळ्यां *"यथाकारी यथाचारी तथा भवति ।"* - जे तरेन मनुष्य कर्म करता, जे तरेन तो विचार करता ते तरेन तागेलें परिवर्तन जाता. देकून भगवंताले ध्यान निरंतर करका. *"तव कथामृतं तप्तजीवनं कविभिरीडितं कल्मषापहम् । श्रवणमङ्गलं श्रीमदाततं भुवि गृणन्ति ते भूरिदा जनाः ॥"* - संसारान त्रासिले जीवांक नवजीवन दिवचें, ब्रह्मज्ञानी पुरुषांनि गायिलें, कामवासना आनी संचित कर्म नाश करचें, आयकलिल्यांक मंगल प्रदान करचें, शान्तिदायक असलें तुगेले कथामृत जे कोण वर्णन करता तो दानी आनी पुण्यशील आसता.

*उत्तारणो दुष्कृतिहा पुण्यो दुःस्वप्ननाशनः ।*
*वीरहाः रक्षणः सन्तो जीवनः पर्यवस्थितः ॥ ९९ ।*

**(९२८). उत्तारणः - जो जीवांक संसारांतल्यान वयर काडता, तो**

संसाराचे तापत्रयाचे त्रासान जेन्नां मनुष्य हताश जाता तेन्नां तो भगवंताकचि प्रार्थना करता. आनी जेन्नां *'सर्वधर्मान्परित्यज्य मामेकं शरणं व्रज'* हे आश्वासनाक लागून मनुष्य शरण वता तेन्नां जरी ते जन्मभर दुराचारी आसल्यारियी तागेले वयर भगवंतालो वरद हस्त आसता. *"अपि चेत् सुदुराचारो भजते मामनन्यभाक् । साधुरेव स मन्तव्यं सम्यग् व्यवसितो हि सः ॥ क्षिप्रं भवति धर्मात्मा शश्वच्छान्तिं निगच्छति । कौन्तेय प्रतिजानीहि न मे भक्तः प्रणश्यति ॥"* (गीता.९.३०-३१). मनापासून जालिले पश्चात्तापान मनुष्यालें अंतःकरण शुद्ध जाता आनी थंय वासुदेवाले वास्तव्याक अवकाश मेळ्ता.

**(९२९). *दुष्कृतिहा* - जो वायट कर्म नाश करता, तो.**

परमात्मालो अनुग्रह जालिले मनुष्याले मनांतु वायट विचार येनांचि; हातांतल्यान वायट आचार घडनांचि. श्री मध्वाचार्यांनि सांगताचि *"स्वर्णकारो यथा स्वर्णमलमग्नौ निहत्य च । शुद्धेन तेन चात्मेष्टं कुरुते रूपमंजुसा ॥ एवं स भगवान् विष्णुर्जीवस्वर्णस्य यन्मलम् । अविद्याकामकर्माद्यमात्माग्नौ नाश्य सर्वकृत् । स्वेच्छया कुरुते रूपं यद् योग्यं तस्य मुक्तिगः ॥"* *(बृहदारण्यकोपनिषद्भाष्य)* - सोनार जे तरेन भांगर उज्यांतु घालनुं तांतूतलें मल काडनुं आपण्याक जाय ते आकाराचें आभरण तयार करता, ते तरेन ज्ञानाग्निंतु जीवात्मांतले अज्ञान आनी कर्म जळ्नुं जीवांक तांग-तांगेले योग्यतानुसार मोक्ष दिता.

मनुष्यान इन्द्रियासक्त जालिल्यान तागेले मनावयर अहंकाराचें आवरण आयिलें आसता. तेन्नां तो भूतकाळांतले अनुभवांचे ज्ञान घेना, वर्तमानकाळचि यथार्थता समजुवनुं घेना देकून ताका भविष्याचि वाट स्पष्ट दीसना. असले समयारि भगवंताले नांवातलें रहस्य संस्मरण जालिल्यान तागेले मनांतु विवेक, वैराग्य, भक्ति आनी ज्ञानाचे अंकुर फुटता. जे तरेन दिवलींतलि वात पूर्ण तरेन तेलांतु बुडल्यार प्रकाश पसरायना ते तरेन संसारांतले विषय सेवनेंतु निरंतर आसचे मनुष्याले मनांतु ज्ञानाचो प्रकाश पसरिलो आसना. जर ते वातीचे एक टोक तरी तेलाचे भायर उरलें तर तीं इन्द्रियं भगवद्भक्तिक पूरक जाताचि. आनी अंतःकरणांतलो परमात्मा जीवांक तापत्रयांतल्यान पार करता. *"तेषमेवानुकम्पार्थमहमज्ञानजं तमः । नाशयाम्यात्मभावस्थो ज्ञानदीपेन भास्वता ॥"* (गीता.१०.११)

### (९३०). *पुण्यः* - जो पवित्र आसा, तो.

परमात्मालें स्वरूप शुद्ध पवित्र आनी पावनमय आसता. ताका पापाचो स्पर्श कदापि जायना. सरोवरांतले चिखल जे तरेन कमलाक स्पर्श करना ते तरेन परमात्मा विश्वांतले कण-कणांतु आसल्यारियी ताका संसारांतले पापकर्म बाधनांचि. कमलापानांवयरचे उदकाचे थेंब्यातरेन तो पानाक चिकटना. आकाशांतु भ्रमण करचो सूर्य जे तरेन आकाशांतले दुर्गंधान स्पर्शित जायना, ते तरेन सर्व संसारांतु अभिप्रेत आशिले ते परमात्माक तापत्रयं बाधनांचि. *"यथा सर्वगतं सौक्ष्म्यादाकाशं नोपलिप्यते । सर्वत्रावस्थितो देहे तथात्मा नोपलिप्यते ॥"* (गीता.१३.३३).

### (९३१). *दुःस्वप्ननाशनः* - जो वायट स्वप्नं नाश करता, तो.

जन्म, व्याधि, जरा आनी मृत्यु हाज्यान भरिलो संसार एक वायट स्वप्नातरेनचि आसा. ते स्वप्नांतल्यान आपूण केन्नां जागो जायत होचि मनुष्यालो निरंतर ध्यास आसता. जो पर्यंत संसारांतले दुर्धर स्वप्नांनि तो त्रासिलो आसता तो पर्यंत तागेलें मन निर्मळ कशीं आसताले, आनी थंय भगवंतालो निवास कशीं जातालो ? भगवंताले नामस्मरणचि असलें एक साधन आसा जें मनांतलें कल्मश नाश करनुं थंय परमात्माले अस्तित्वाक आस्पाव दिता.

### (९३२). *वीरहा* - जो अहंकार नाश करता, तो.

मनुष्यालो सर्वसामान्य स्वभाव ताका अहंकारान प्रवृत्त करता. *"काममाश्रित्य दुष्पुरं दम्भमानमदान्विताः । मोहाद् गृहीत्वाऽसद्ग्राहान्प्रवर्तन्तेऽशुचिव्रताः ॥ . . . अनेकचित्तविभ्रान्ता मोहजालसमावृताः । प्रसक्ताः कामभोगेषु पतन्ति नरकेऽशुचौ ॥ . . . अहंकारं बलं दर्पं कामं क्रोधं च संश्रिताः । मामात्मपरदेहेषु प्रद्विषन्तोऽभ्यसूयकाः ॥"* (गीता.१६.१०,१६, १८).

असले वाट चुकिले जन जेन्नां जाणताचि कीं आपण्याले शक्तिक लागून न्हंय तर आपण्याले अंतःकरणांतले परमात्माले प्रेरणेक लागून आपूण कर्तुत्व करता म्हण्णुं जाणता तेन्नां कृपालु परमात्मा ताका सत्पथादिकान चलचाक प्रवृत्त करता. *"त्रिविधं नरकस्येदं द्वारं नाशमात्मनः । कामः क्रोधस्तथा लोभस्तस्मादेतत्त्रयं त्यजेत् ॥ एतैर्विमुक्तः कौन्तेय तमोद्वारैस्त्रिभिर्नरः । आचरत्यात्मनः श्रेयस्ततो याति परां गतिम् ॥"* (गीता.१६.२१-२२)

### (९३३). *रक्षणः* - जो जीवांक रक्षण करता, तो.

जीवांले रक्षण म्हळ्यार जीवाले देहाचें रक्षण नासताना तागेले आत्माचें रक्षण आनी आधार जावनुं आसा. जो मनुष्य भगवंतालि भक्ति निरंतर करता ताका अपयश ना. *"पार्थ नैवेह नामुत्र विनाशस्तस्य विद्यते । न हि कल्याणकृत्कश्चित् दुर्गतिं तात गच्छति ॥ प्राप्य पुण्यकृतां लोकानुषित्वा शाश्वतीः समाः । शुचिनां श्रीमतां गेहे योगभ्रष्टोऽभिजायते ॥ अथवा योगिनामेव कुले भवति धीमताम् । एतद्धि दुर्लभतरं लोके जन्म यदीदृशम् ॥ . . . पूर्वाभ्यासेन तेनैव ह्रियते ह्यवशोऽपि सः । जिज्ञासुरपि योगस्य शब्दब्रह्मातिवर्तते ॥ प्रयत्नाद्यतमानस्तु योगी*

*संशुद्धकिल्मिषः । अनेकजन्मसंसिद्धस्ततो याति परां गतीम् ॥"* म्हण्णुं गीर्तेतु (६.४०-४२;४४-४५) श्री कृष्ण आश्वासन दिता.

संसारांतु मनुष्याले सत्वाचें आनी सत्कार्याचें भक्षण जातः. असले परिस्थितींतु केवल परमात्मा भक्तांले रक्षण करता. *"आयुर्नश्यति पश्यतां प्रतिदिनं याति क्षयं यौवनं । प्रत्यायान्ति गताः पुनर्न दिवसाः कालो जगद् भक्षकः ॥ लक्ष्मीस्तोयतरङ्गभङ्गचपला विद्युच्चलं जीवितं । तस्मात्वां शरणगतं शरणद ! त्वं रक्ष रक्षाधुना ॥"* - पळ्यतपळ्यत आयुष्य नाश जायत आसा, यौवन क्षीण जायत आसा, गेल्लिले दिवस परत येनांचि, काळ जगाचें भक्षण करत आसा, लक्ष्मी उदकावयले फुग्यातरेन चंचल आसा, जीवन वीजेतरेन क्षणभर चमकता. देकून देवा शरण अयिले मेगेलें रक्षण कर, सत्वर रक्षण कर म्हण्णुं भक्त प्रार्थना करता.

**(९३४). *संतः* - कोणांले अस्तित्व सत्य तत्व आसा, तो.**

भगवंताले सत्य स्वरूप तागेले निर्मल दोळ्यांतु आनी शीतल उत्रांतु प्रगट जाताचि. ती भगवत्भावना ऋषीमुनींले आचरणेंतु प्रतिबिंबित जाता. *"सन्तोऽनपक्षेया मच्चित्ताः प्रशान्ताः समदर्शिनः । निर्ममा निरहङ्कारा निर्द्वन्द्वा निष्परिग्रहः ॥"* - संत जन कसल्याचिही अपेक्षा करनांचि, परमात्मांतु चित्त एकाग्रित आसून ते शांत स्वभावाचे, समदृष्टींचे, आपूण-आपण्याले असली भावना, अहंकार नाशिले, द्वन्दरहित आनी अपरिग्रह आसताचि. वास्तविक ते पृथ्वीवयले देवचि आसाचि.

**(९३५). *जीवनः* - जो सर्वांक जीवन प्रदान करता, तो.**
**(९३६). *पर्यवस्थितः* - जो चारी दिकान पसरिलो आसा, तो.**

भगवंतान दिवचे जीवन मोक्ष दिवर्चे जीवन आसता. तागेले अस्तित्व सर्व दिकान पसरिल्यान तागेले प्रभाव आत्मसात् जावचाक प्रत्येक मनुष्यान स्वतःचे तन-मन श्रद्धेन उघड दवरका.

*अनन्तरूपोऽनन्तश्रीर्जितमन्युर्भयापहः ।*
*चतुरस्रो गभीरात्मा विदिशो व्यादिशो दिशः ॥ १०० ॥*

**(९३७). *अनन्तरूपः* - कोणालीं अगणित रूपं आसाचि, तो.**

कठोपनिषदांतु भगवंताले एकचि रूप तागेले अनेक स्वरूपांतु सर्जन जाता म्हण्णुं कठोपनिषद सांगता - *"अग्निर्यथैको भुवनं प्रविष्टो रूपं रूपं प्रतिरूपो बभूव । एकस्तथा सर्वभूतान्तरात्मा रूपं रूपं प्रतिरूपो बहिश्च ।" "बहुधाशक्तियोगात् वर्णाननेकान् निहितार्थो दधाति ।"* तें आपण्याले असामान्य शक्तिक लागून वेग-वेगळे वर्णाचे वेग-वेगळे अर्थ निर्माण करता.

मैत्रायणी उपनिषद विष्णुले अनंत रूपाचि व्याख्या करता. *"स एव विष्णुः स वा एष एकस्त्रिधाभूतोऽष्टधैकादशधा द्वादशधाऽपरिमितधा चेद्भूत उद्भूतत्वाद्भूतेषु चरति प्रतिष्ठा सर्वभूतानामधिपतिर्बभूवेत्यसावात्मान्तर्बहिश्चान्तर्बहिश्च ॥"* - तो एक विष्णु एकचि परमात्मा आसून तीन रूपांतु (चतुर्मुख ब्रह्मा, विष्णु, महेष), आठ रूपांतु (धर, ध्रुव, सोम, सावित्रः, अनिल, अनल, प्रतयुष आनी प्रभास), अकरा रुद्र रूपांतु (अजैकपात्, अहिर्बुध्न्य, पिनाकिन्, ईश्वर, कपालिन्, कपर्दिन्, त्र्यंबक, बहुरूप, मृगव्याध, वृषाकपि आनु स्थाणु), बारा अदित्य (धाता, मित्र, अर्यमा, मार्ताण्ड, वरुण, अंश, भग, विवस्वान्, पूषा, सविता, त्वष्टा आनी विष्णु) आनी अगणित रूपांतु अभिप्रेत जाता. अनेक रूपान भूतजातींतु निवास करचो तो सर्व प्राणींलो अधिपति आसा. भायर भितर आत्मरूपान वावुरता. सर्व अवतारांतु आनी आवेशांतु स्थित्यंतर जाता किंवा ते एकमेकांपासून भिन्न म्हण्णुं मानचें अज्ञानाचें लक्षण आसा. सूर्य आनी विंग-विंगड उदकांतले प्रतिबिम्बांतु जो फरक आसता तोचि फरक परमात्माले मूल स्वरूप आनी तागेले अनेक स्वरूपांतु आसा.

श्री मध्वाचार्य गीता तात्पर्यांतु *"मत्स्यकूर्मादि रूपाणां गुणानां कर्मणामपि । तथैवायवानां च भेदं पश्यति यः क्वचित् ॥ भेदाभेदौ च यः पश्येत् स याति तम एव तु । पश्येदभेदमेवैषां बुभूषुः पुरुषस्ततः ॥ . . . विशेषस्तु स एवायं*

*नानवस्था ततः क्वचित् । प्रादुर्भावादिरूपेषु मूलरूपेषु सर्वतः ॥ न विशेषोऽस्ति सामर्थ्ये गुणेष्वपि कदाचन ॥"* म्हण्णुं परमात्माले मूल आनी प्रादुभाव स्वरूपांतु, गुणांतु, सामर्थ्यांतु कांयी भेद आसना म्हण्णुं स्पष्टीकरण दिताचि.

## (९३८). *अनन्तश्रीः* - कोणांले वैभव अन्त ना, तो.

तागेले वैभवाक सीमा किंवा अंत ना. स्वतः धनवान् आसून भक्तांकवी धनवान् करता. *"भग एव भगवाँ अस्तु देवास्तेन वयं भगवन्तः स्याम ।"* ऋग्वेदांतु (७.४१.५) हाजो आधार मेळता. भग शब्दाचो अर्थ केवल संपत्ता न्हंय तर ते शब्दांतु भाग्यवान्, ऐश्वर्यवान्, वैभवसंपन्न, सौभाग्यसंपन्न, सौंदर्यसंपन्न, श्री, लक्ष्मीलो स्वामी उत्यादि अर्थ समावेश जालिले आसाचि. श्री कृष्ण स्वतः सांगता *"नान्तोस्ति मम दिव्यानां विभूतीनां परंतप । एष तूद्देशतः प्रोक्तो विभूतेर्विस्तारो मया ॥ यद्यद्विभूतिमत्सत्वं श्रीमदूर्जितमेव वा । तत्तदेवावगच्छ त्वं मम तेजोंऽशसम्भवम् ॥"* (गीता.१०.४०-४१).

## (९३९). *जितमन्युः* - कोणें क्रोधावयर विजय मेळयला, तो.

इन्द्रियासक्तिक लागून येवचो क्रोध संसारांतले अस्थिरतेक पूरक आनी मनशान्तिक आतंक आसा. पुण कोणाक इन्द्रियांपासून निर्माण जावचे कामसुखाचि इच्छाचि आसना ताका क्रोधाचो अवकाश स्वंयचान आसतालो ? जो क्रोधावयर विजय मेळयता तोचि विषयाकर्षणा वयर विजय पावता. तो जीतक्रोध, जीतमन्यु आसता. परमात्माले आचरणेंतु दिसून येवचो क्रोध सात्विक आशिल्यान तो मनुष्यांलि दुष्ट बुद्धि, प्रवृत्ती आनी कृति नाश करनुं थंय साधु बुद्धि आनी धर्म स्थापन करता.

## (९४०). *भयापहः* - जो भक्तांले काळजांतले भय नाश करता, तो.

संसाराचे तापत्रयांपासून त्रासिलो मनुष्य पावलोन-पावल काळसर्पाचो भयानक विषाचो अनुभव येत आसता. संसारांतु पसरिलें मायाजालाक लागून इन्द्रियसुख बन्धनकारी आसताचि. विषय सुखांमागशेचि दःखाचि सावळी ताका दीसना. जेन्नां सुखाचो प्रभाव कमी जाता आनी दःखाचो प्रकोप मुखार येता तेन्नां तो भियेता.

असले असहाय संदर्भारि भगवंताले अमृततुल्य अनुग्रहाचो अवकाश मेळिले नाशिल्यान तागेले मन आनी जीव भांबावनुं वता. संकट आयले कीं मनुष्याक वेंकटरमणालि याद येता म्हणताचि. तरी पुण मनुष्याक भगवंताले नांव औषधातरेन शीतल आनी गुणकारी आसता.

परमात्माले नांवांचे महत्व भागवत पुराण सांगता - *"स्तेनः सुरापो मित्रध्रुग् ब्रह्महा गुरुतल्पगः । स्त्रीराजपितृगोहन्ता ये च पातकीनोऽपरे ॥ सर्वेषामप्यघवतामिदमेव सुनिष्कृताम् । नामव्यवहारणं विष्णोर्यतस्तद्विषया मतिः ॥ न निष्कृतैरुदितैर्ब्रह्मवादिभिस्तथा विशुद्ध्यघवान् व्रतादिभिः । यथा हरेर्नामपदैरुदाहृतैस्तदुत्तमश्लोकगुणोपलम्भकम् ॥"* श्री विष्णुले नावांचे केवल उच्छार केले तरी पापी, दुराचारी जनांले पाप नाश जाता. व्रत, यम-नियमं इत्यादि आचरणेन इतलें पुण्य मेळना जितलें नामोच्छारान मेळता. देकून संचित कर्म नाश करचे खातीर नामस्मरणा तसले दुसरे साधन ना. *"यत्कर्मनिर्हारमभिप्सितां हरेर्गुणानुवादः खलु सत्वभावनः ॥"*

## (९४१). *चतुरस्रः* - कोणाले चार निवास स्थान आसाचि, तो.

परमात्मा सर्वव्यापी आसल्यारियी तागेलें रूप विशेष जाग्यारीचि अभिव्यक्त जाता. *"चतुर्धावस्थितो देहे परमात्मा सनातनः"* म्हण्णुं श्रीमध्वाचार्य मांडूक्योपनिषद्भाष्यांतु सांगून *"एष सर्वेश्वर एव सर्वज्ञ एषोंऽतर्यामी । एष योनिः सर्वस्य प्रभवापयौ हि भूतानां ॥"* मुखार सरनुं ते स्पष्ट करताचि, *"एष चतूरूप आत्मा सर्वज्ञात्वसर्वेश्वरत्वादिलक्षणः । . परमात्मा चतुरूपः सर्वप्रणिशरीरगः । विश्वश्च तैजसः प्राज्ञस्तुरीयश्चेति कथ्यते । तानि रूपाणि सर्वाणि पूर्णानंदमयानि तु ।"* - परमात्मालें रूप सर्व ज्ञान आनी ईश लक्षणांनि पूर्ण आसून तीं सर्व आनंदमय आसाचि.

**(९४२). *गभीरात्मा* - कोण आपण्यालें कार्य करताना गंभीर आसता, तो.**

भगवंतालें स्वरूप आनी शक्तिचें माप घेवचाक जायना. तागेले कार्य कौशल्याचें संपूर्णरीतीन कौतुक करचे साध्य जायना. वाणीन वर्णन करचाक जायना, केवल मन आनी बुद्धीन अनुभवचांतु येता. भायर संसारांतु शोधचांतु येवचो भगवंत भक्ताले भितर काळजांतु अनुभववचांतु येता तेन्नां तागेलें जीवन सफल जाता.

विश्व निर्माण करचें कार्य, ऋत-धर्माचे नियमन, कालानुसार ताजे संरक्षण हें सर्व तागेले निश्चित संकल्पाक लागूनचि आसा. परमात्मालो संकल्प जो जाणता आनी जाण घेवनुं ते ते संकल्पानुसार आपण्याले जीवन जगता तोचि भगवंतान निर्माण केलिली यज्ञसंस्थेक गति दिता.

परमात्मालें संकल्पाशिवाय झाडाचें पान हालना. तागेले प्रत्येक कार्या मागशीं सविचार आनी सुविचार आसून प्रत्येक कार्यांतु गांभीर्य आसता. परमात्मालि लीला म्हळ्यार दुर्मेय, विषम, अप्रासंगिक, निरपेक्ष, बेजबाबदार वर्तणूक न्हंय; ताणेंचि घालनुं दिलिले ऋतु-धर्माक लागून आशिले कार्यक्रम.

**(९४३). *विदिशः* - जो सर्व दिशांक फलद्रूप करता, तो.**
**(९४४). *व्यादिशः* - जो सर्व दिशांतु नियमं घालनुं दिता, तो.**

परमात्मान सृष्टीचि निर्मिती केले नंतर तार्जे संरक्षण आनी संवर्धन करचे खातीर योग्य ते ऋत-धर्मांचे नियम घालनुं दिले जे केवल मनुष्यांखातीर न्हंय तर देव-दानवांकबी लागू आसताचि.

पूर्व, पश्चिम, उत्तर आनी दक्षिण हे चार दिशा आनी ईशान, आग्नेय, नैऋत्य आनी वायव्य हे चार विदिशा जावनुं आसाचि. ते ते दिशाचे अभिमानी देवता साधकांले साधनेंचे रक्षण, पोषण आनी संवर्धन करता. देकून विंग-विंगड देव-देवींलि प्रार्थना आनी पूजेचि रूढी प्रचारांतु आयलि. *"इन्द्रो मां पातु पूर्वेश्च वह्निकोणेऽनलोवतु । यमो मां दक्षिणे पातु नैऋत्यां निऋतिः च माम् । पश्चिमे वरुणः पातु वायव्यां पवनोऽवतु । कुबेरो दिशिकौ दीप्याम ईश ईशान कोणके । ऊर्ध्व ब्रह्मा सदा पातु अधश्च अनन्त एव च ॥"* परमात्माले कृपेखातीर परमात्मालागींचि वच्चें आवश्यक ना, तागेले अंशरूपान आशिले अभिमानी देव तांग-तांगेले शक्त्यानुसार फल प्राप्ती करनुं दिताचि.

**(९४५). *दिशः* - जो सर्वांक जीवनाचि दिशा दाखोवनुं अंतिम फल दिता, तो.**

श्री शंकराचार्यांनि *दिशः* शब्दाचि व्याख्या *"समैस्तानां कर्मणां फलानि दिशन् वेदात्मना दिशः ।"* - सर्व कर्मांचे फल दिवचो परमात्मा म्हण्णुं केल्यां. आनी तें योग्यचि आसा. विंगड सर्व देव-देवींले शक्तिचे मूल स्रोत साक्षात् परब्रह्म परमात्माचि जावनुं आसा.

*अनादिर्भूर्भुवो लक्ष्मीः सुविरो रुचिराङ्गदः ।*
*जननो जनजन्मादिर्भीमो भीमपराक्रमः ॥ १०१ ॥*

(९४६). *अनादि* - कोणाले अस्तित्वाक सुरवात ना, तो.

*"अनः चेष्टयिता आदिश्च सर्वस्य इति अनादि । अजत्वेन सिद्धेः इतरस्य ।"* - *'अन'* म्हळ्यार जो सर्वांक प्रेरक आसा आनी *'आदि'* म्हळ्यार जो सर्वांक कारण जावनुं आसा, तो परमात्मा. तेचि तरेन *"अनस्यापि आदिः अनादिः ।"* - *'अन'* म्हळ्यार सर्वांक प्रेरक जावनुं आशिलो मुख्य प्राण आनी *'आदि'*, ताजे पेक्षां पयलेचो कारण जावनुं आशिलो परमात्मा म्हण्णुं श्री मध्वाचार्यांनि गीतभाष्यांतु स्पष्टीकरण केलिलें आसा.

(९४७). *भूर्भुवः* - सर्व जीव-जगत्‌चो आधार आनी प्रेरक जावनुं आसा, तो.

सृष्टी निर्माण केले नंतर ताजें पोषण, संरक्षण आनी प्रेरण परमात्माचि करत आसून तोचि सर्वांलो आधार जावनुं आसा. प्रत्येक जीवांतु परमात्मालि शक्तीचि सुप्तावस्थेंतु आसून ती प्रेरित करचें कार्य तो स्वत: करता.

**(९४८). *लक्ष्मी:* - जो सर्व सृष्टीचे वैभवाचें लक्षण जावनुं आसा, तो.**

भगवंत न केवल सृष्टीचो कर्ता आनी भर्ता पुण ताजो वैभवाचें प्रतीक-लक्षणवी जावनुं आसा. लक्ष्मी म्हळ्यार लक्षणवंत.

**(९४९). *सुवीर:* - जो शुभ आनी वीरगतीचो आसा, तो.**

जो परमात्मा आपण्याले शुभस्वरूपान सर्व ब्रह्माण्डांतु एक अद्वितीय वैभव पसरायता, तोचि विश्वाचे प्रेरणेक आनी प्रगतीक चलन दिता.

**(९५०). *रुचिराङ्गद:* - कोणांले सर्व अंग-अंगं आकर्शक आसाचि, तो.**

परमात्मालें कृष्ण हे नांवांक शोभचे तसलें हें नांव आसा. तो आकर्शक आसा म्हळ्ळें कीं तागेलिं प्रत्येक अवयव आकर्शित आसाचि म्हणचें आवश्यक आसावे ? जेन्नां मनुष्याले संसारांतु अंध:कार पसरता तेन्नां तागेले दर एक अवयव सुखावह आनी पावनमय आसता.

भागवत पुराणांतु चतुर्मुख ब्रह्मान परमात्माले अलौकिक स्वरूप दर्शन दाखोवचांतु येता. *"ददर्शतत्राखिलसात्वतां पतिं श्रिय: पतिं यज्ञपतिं जगत्पतिम् । सुनन्दनन्दप्रबलार्हणदिभि: स्वपार्षदमुख्यै: परिसेवितं विभूम् ।। भृत्यप्रसादाभिमुखं दृगासवं प्रसन्नहासारुणलोचनाननाम् । किरीटिनं कुण्डलिकं चतुर्भुजं पीताम्बरं वक्षसि लक्षितं श्रिया ।। अध्यर्हणीयासनमास्थितं परं वृतं चतु:सोडशपञ्चशक्तिभि: । युक्तं भगै: स्वैरितरत्र चाध्रुवै: स्व एव धामन् रममाणमीश्वरम् ।। तद्दर्शनाह्लादपरिप्लुतान्तरो हृष्यत्तनु: प्रेमभराश्रुलोचन: । ननाम पादाम्बुजस्य विश्वसृ‍ यत् पारमहंस्येन पथाधिगम्यते ।।"*

**(९५१). *जनन:* - जो जीवांक जन्म दिता, तो.**
**(९५२). *जनजन्मादि:* - जो जीव-जगत्‌चे उत्पत्तीचो कारण आसा, तो.**

अनंतकाळपासुन अनेक जीव-जगत् निर्माण जाले आनी विनाश पावले. ते सर्वांचो उत्पत्तीचें मूळ कारण, जनक परमात्मा जावनुं आसा. जो *तद् एकम्* आशिलो तोचि *हिरण्यगर्भ* आनी *विराट पुरुष* जालो. अव्यक्त आशिलो तोचि काळांतरान नाम-रूप धारण करनुं व्यक्त जालो. आनी आपण्याले उदरांतु समावेश जावनुं आशिले जीव-जगाक आपण्याले शक्तीन प्रवृत्त करतालो जालो.

**(९५३). *भीम:* - जो अत्यंत शक्तिमान् आसा, तो.**
**(९५४). *भीमपराक्रम:* - जो अतुल पराक्रमाचो आसा, तो.**

श्री विष्णुले पराक्रमाचे गुणगान वेदांतु पदोन् पद जायत आसता. *"आस्य जानन्तो नाम चिद्विवक्तन महस्ते विष्णो सुमतिं भजामहे । . . . विष्णोर्नु कं वीर्याणि प्र वोचं य: पार्थिवानि विममे रजांसि । यो अस्कभायदुत्तरं सधस्थं विचक्रमाणस्त्रेधोरुगाय ।। . . . प्र तद्विष्णु: स्तवते वीर्येण मृगो न भीम: कुचरो गिरिष्ठा: । यस्योरुषु त्रिषु विक्रमणेष्वधिक्षियन्ति भुवनानि विश्वा ।।"* (ऋग्वेद १.१५६; १.१५४.१-२).

*आधारनिलयोऽधाता पुष्पहास: प्रजागर: ।*
*ऊर्ध्वग: सत्पथाचार: प्राणद: प्रणव: पण: ।। १०२ ।।*

**(९५५). आधारनिलय: - जो आधाराचें आनी आश्रयाचें अंतिम स्थान जावनुं आसा, तो.**

*"पृथिव्यादि पञ्चभूतानामाधाराणामाधारत्वात् आधारनिलय:"* म्हण्णुं श्री शंकराचार्य हे नांवांचे विश्लेषण करताचि. सर्व भूतजातिंक आधार दिवचे पृथ्वीकबी तो आधार जावनुं आसा. योगशास्त्राचे निमृयमानुसार *'आधार निलय'* म्हळ्यार मनुष्याले शरीरांतु आसचें मूलाधार आसून थंय श्री विष्णुले शक्तिस्थानाचें चिंतन करचांतु येता. ते शक्तिक जागें करनुं साधक आपण्यालि साधना पूर्ण करता.

**(९५६). *अधाता* - कोणांक दुसऱ्यांलो आधार नाका, तो.**

तो स्वत: सर्वांलो आधारस्तंभ आशियान ताका दुसऱ्यांलो आधाराचि जरूर नासता. तो स्वत: *"विश्वाधारं गगनसदृशं मेघवर्णं शुभाङ्गं"* आसा.

**(९५७). *पुष्पहास:* - कोणांलो व्यक्तस्वरूप फुल्लिले फुलांचे तरेन प्रफुल्लित आसता, तो.**

साधकाले साधनेंतु जशें जशें कुण्डलिनी शक्ति मूलाधार चक्रापासून सहस्रार चक्रादिकान सळसळ ऊर्ध्वगतीन वता तशें तशें तागेले शरीरांतु कमलातरेन आशिले योगचक्राचे पाकळ्यो एकामागशीं एक उघडत वताचि आनी अखेरीक जेन्नां सहस्रदलांचे कमल फुलता तेन्नां ताका अपरोक्ष ज्ञान प्राप्त जाता. हाकाचि सत् शक्तिचें उत्थान म्हणताचि. श्री कृष्णान गीतेंतु हे आधार स्तंभाचें महत्व समजावनुं सांगल्या. *"सत्वं निर्मलत्वात्प्रकाशकमनामयम् । सुखसङ्गेन बध्नाति ज्ञानसङ्गेन चानघ । . . . ऊर्ध्वं गच्छन्ति सत्वस्था . . . ॐ तत् सद् इति निर्देषो ब्रह्मणस्त्रिविध: स्मृत: । ब्राह्मणस्तेन वेदाश्च यज्ञाश्च विहिता: पुरा ॥"* (गीता.१४.६, १८; १७.२३).

**(९५८). प्रजागर: - जो नित्य जागृत आसता, तो.**

परमात्मा सदा प्रज्ञावान् आसता. *"यततो ह्यपि कौन्तेय पुरुषस्य विपश्चित: । इन्द्रियाणि प्रमाथिनि हरन्ति प्रसभं मन: ॥ . . . तस्माद्यस्य महाबाहो निगृहितानि सर्वश: । इन्द्रियाणीन्द्रियार्थेभ्यस्तस्य प्रज्ञा प्रतिष्ठिता ॥ या निशा सर्वभूतानां तस्यां जागर्ति संयमी । यस्यां जाग्रति भूतानि सा निशा पश्यतो मुने: ॥"* म्हण्णुं सदा जागृत आशिले योगीलो परिचय गीतेंतु (२.६०; २.६८-६९) करनुं दिता. सदा जागे आशिले साधकांक कसलेंयी भय आसना.

सत: ज्ञानी म्हण्णुं वावुरचो मनुष्य वास्तविक अज्ञानि आसता. स्वत: अज्ञानान आवृत्त आशिल्यान दुसऱ्यांकबी तो अज्ञानाचे अंध:कारांतु व्हरता. असले मनुष्यांपासून सावध आसचाक उपनिषद सांगता. *"अविद्यायामंतरे वेष्ट्यमाना: स्वयं धीरा: पंडितंमन्यमाना: । जंघन्यमाना: परियंति मूढा: अंधेनैव नीयमाना यथांधा ॥ अविद्यायां बहुधा वर्तमाना: स्वयं कृतार्था इत्यभिमन्यंति बाला: । यत्कर्मिणो न प्रवेदयंति रागात् तेनातुरा क्षीणलोकाश्च्यवन्ते ॥"* (मुण्डकोपनिषद) कारण विद्या आनी अविद्येंतु फरक आसता. *"विद्यां चाविद्यां च यस्तद्वेदोभयं सह । अविद्यया मृत्युं तीर्त्वा विद्ययाऽमृतंमश्नुते ॥"* कोण हें समजनासताना सत्पथावयर चलचो हव्यास करता, तो सावध मनुष्य न्हंय म्हणका. इन्द्रियांचे आनी अहंकाराचे आवरणान भ्रमांतु आसचो मनुष्य तो.

**(९५९). *ऊर्ध्वग:* - जो साधकांक उच्च गतीक पावयता, तो.**

मनुष्यांलो स्वभाव सर्व साधारण इन्द्रियांक लागून सकयल ओढता. पुण तागेलेवयलो सात्विक संस्कार तागेले स्वभावाक ऊर्ध्वगती दिकान व्हरता. देकून मनुष्यान आपण्यालि इन्द्रियं आनी मनावयर संयम दवयनुं भगवंताले विषय प्रिति दवरका.

**(९६०). *सत्पथाचार:* - जो भक्तांक सत्यमार्गावयर चलयता, तो.**

**(९६१). *प्राणद:* - जो सर्व जीवांक प्रेरित करता, तो.**

*"परांचि खानि व्यतृणात् स्वयंभूः तस्मात् पराक् पश्यति नांतरात्मन् । कश्चिद्धीरः प्रत्यगात्मानमैक्षत् आवृत्तचक्षुः अमृतत्वमिच्छन् ॥"* म्हण्णुं कठोपनिषदांतु सांगल्या. जनांलि दृष्टी सामान्यतः इन्द्रियांक लागून भायरचे जगादिकान आसता. पुण जो मनुष्य अंतरात्मांतले श्री विष्णू दिकान दृष्टी करता तोचि तागेले प्रभावान प्रेरित जाता.

**(९६२). *प्रणवः* - जो ॐकारस्वरूप आसा, तो.**

*"ॐ इत्येतदक्षरमिदं सर्वं स्योपव्याख्यानं भूतं भवद् भविष्यदिति । सर्वमोंकार एव यच्चान्यत्त्रिकालातीतं तदप्योंकार एव ॥"* मांडूक्योपनिषदाचे हे मंत्रावयर भाष्य करचें पयलें श्री मध्वाचार्य मंगल श्लोकांतु सांगताचि, *"पूर्णानंदज्ञानशक्तिस्वरूपं नित्यमव्ययम् । चतुर्धा सर्वभोक्तारं वंदे विष्णुं परं पदम् ॥ . . . ओताः सर्वगुणाः यस्मादस्मिन् ॐ विष्णुरुच्यते । स्वं प्रकाशस्वरूपत्वात् ब्रह्म तद् व्याप्तरूपतः । पुनः स्वं सुखरूपत्वात् पुराणं तदनादितः ।"* - परमात्मा पूर्ण, आनंद, ज्ञान, शक्तिस्वरूप, सनातन आनी अविनाशी आसून चार (जागृत, स्वप्न, सुषुप्ति आनी तुरीय) रूपान जीवांक प्रेरित करता. विष्णुले ते परम पदाक हांवु प्रणाम करतां.

**(९६३). *पणः* - जो विश्वाचो व्यवहार सूरळीत चलयता, तो.**

विश्व निर्माण केले नंतर ताजो निर्वाह सुरळीत चलका म्हण्णुं ऋत-धर्माचे नियमं परमात्मान घालिले आसाचि.

***प्रमाणं प्राणनिलयः प्राणभृत्प्राणजीवनः ।***
***तत्वं तत्वविदेकात्मा जन्ममृत्युजरातिगः ॥ १०३ ॥***

**(९६४). *प्रमाणं* - जो सत्य असत्य जाणचें प्रमाण आसा, तो.**

वेद ज्ञानाचें साधन जावनुं आसा. आनी वेद अनंत काळपासून परमात्माचे प्रमाणबी आसाचि. श्री मध्वाचार्यांनि विष्णु तत्वनिर्णयांतु स्पष्ट केलिले तरेन *"नित्या वेदाः समस्ताश्च शाश्वता विष्णुबुद्धिगा : । सर्गे सर्गेऽमुनैवेते उद्गीर्यन्ते तथैव च । तत्क्रमेणैव तैर्वर्णैः तैः स्वरैरेव नान्यथा ।"* - वेद नित्य आनी शाश्वत आसून परमात्माले संकल्प तेचि क्रमान, तेचि वर्णान आनी तेचि स्वरान अभिप्रेत जाता. विश्व निर्माण केले नंतर परत संसारास्वातीर परमात्मा वेदांक प्रमाण म्हण्णुं दिता. देकून परमात्मांतु आनी वेदांतु वास्तविक कांयी भेद ना. *"तत्प्रमाणं च स्वत एव सिद्धम् ।"* म्हण्णुं आचार्य मुखारसरनुं प्रतिपादन करताचि.

**(९६५). *प्राणनिलयः* - जो मुख्यप्राणाचें निवासस्थान जावनुं आसा, तो.**
**(९६६). *प्राणभृत्* - जो प्राणाचो प्रेरक जावनुं आसा, तो.**
**(८६७). *प्राणजीवनः* - जो जीवांक प्रेरित करचो प्राण जावनुं आसा, तो.**

साधकाले अध्यात्मसाधनेंतु प्राणाचे महत्व अत्यधिक आसा. देकून जेन्नां सर्व इन्द्रियाभिमानी देव असुरांकडचान पापग्रस्त जावनुं हरले तेन्नां ते सर्व मुख्यप्राणाक शरण वताचि. असुरांक मुख्यप्राणाकडचान हार मानचें पडता. प्राणायम करचो साधक तामसिक प्रवृत्तींचो नाश करनुं सात्विक गुणांचो उत्कर्श घडयता.

असले मुख्यप्राणाक परमात्मालि प्रेरणा आशिल्यान योग साधनेंतु कुण्डलिनी जागृत करचाक मुख्यप्राणाचि मदत मेळता. कठोपनिषदांतु म्हळ्ळे तरेन *"न प्राणेन नापानेन मर्त्योजीवति कश्चन । इतरेण तु जीवन्ति यस्मिन्नेतावुपाश्रितौ ॥"* योगसाधनेंतु प्राणाचे अद्वितीय शक्तीक लागून प्राणायमाक महत्व दिवचांतु येता.

**(९६८). *तत्वम्* - जो परम तत्व किंवा परम चैतन्य जावनुं आसा, तो.**
**(९६९). *तत्ववित्* - कोणाक परम तत्वाचें ज्ञान आसा, तो.**

श्री शंकराचार्य भाष्य करताना स्पष्टायताचि, *"तत्वममृतं सत्यं परमार्थः सतत्वमित्येते एकार्थवाचिनः परमार्थसतो ब्रह्मणो वाचकः शब्दः तत्वम् ।"* - तत्व, अमृत, सत्य, परमार्थ आनी सतत्व हे सर्व शब्द समानार्थ आसून तं ब्रह्मववचक आसाचि.

(९७०). *एकात्मा* - जो एकमेव परतत्व जावनुं आसा, तो.

जगांतु एकचि सत्य आसा आनी तें म्हळ्यार परमात्मतत्व. आनी सर्व ताजे पासूनचि निर्माण जालिले आसाचि.

(९७१). *जन्ममृत्युजरातिगः* - कोणें जन्म, मरण, व्याधिवयर विजय मेळयल्यां, तो.

परमात्मा पूर्णगुणांनि परिपूर्ण आशिल्यान संसारांतले सुखदुःखांचो प्रभाव ताजे वयर ज्ञायना. तो ते सर्वांपासून अलिप्त आसता.

*भूर्भुवस्स्वस्तरुस्तारः सविता प्रपितामहः ।*
*यज्ञो यज्ञपतिर्यज्वा यज्ञाङ्गो यज्ञवाहनः ॥ १०४ ॥*

(९७२). *भूर्भुवस्स्वस्तरः* - जो भुर् भुव आनी स्वः हे तीन व्याहृतींचे वृक्ष जावनुं आसा, तो.
(९७३). *तारः* - जो भक्तांक संसार तारण करचाक सहाय्य करता, तो.

पृथ्वी, अंतरिक्ष आनी स्वर्ग हे तीन लोक एक वृक्षातरेन पसरिले आसून ते वेदाचे तत्वख्यान आसाचि. हे तीन व्याहृतींक आहुति दिलिल्यान परमगति प्राप्त जाता.

मनुष्याले द्रिश्टीक जीवनाचे भौतिक दर्शन जायना, आध्यात्मिक शक्तिचो अनुभव तर दूर उरलो. पुण जेन्नां मनुष्याक 'भू'चो अनुभव 'भुव' आनी 'स्वः' सयत जाता तेन्नांचि तागेलि द्रिश्टी व्यापक जावनुं ते दिव्य तत्वादिकान आकर्शित जाता. जेन्नां स्थूल शरीरार्चे आकर्शण कमी जाता तेन्नां परमात्मान आपण्याले अनंत हातांनि दिलिलें वैभव तो आपण्याले दोन्नीं हातांनि उचलचें साहस करता आनी तांतूतचि आसता तागेलें व्यक्तिमत्व आनी धर्म. ते पुरुषार्थाक लागून तो आपण्याले संसार सागरांतल्यान पार जाता.

(९७४). *सविता* - जो प्रकाशाचे मूल स्वरूप जावनुं आसा, तो.

गायत्री मंत्रांतले तीन व्याहृति भुः भुवः आनी स्वः हांचो उच्छार करनुं सवितेचे *वरेण्यं भर्गं* - श्रेष्ठ प्रकाशाचि उपासना करचि आसता. हे प्रकाशाक लागून अंतराकाश प्रज्वलित जाता, मनुष्याले धी. शक्ति तेजाळ जावनुं सविता तेजाचें चिंतन परमात्माले स्वरूपांतु करचांतु येता.

(९७५). *प्रपितामहः* - जो सर्व जीव-जगत्चो प्रप्रथम पिता आसा, तो.

विश्वांतले सर्व तेजाचे मूळ स्रोत भगवान विष्णुले पासून सुरवात जायत आशिल्यान आनी पितामह ही संज्ञा सामान्यतः चतुर्मुख ब्रह्मदेवाक दिवचांतु येत आशिल्यान परमात्माचि आदिपुरुष आनी प्रपितामह आसा.

(९७६). *यज्ञः* - जो यज्ञांतलो पुरुष जावनुं आसा, तो.

विश्व निर्माण जाले नंतर ताजे योग्य रीतीन धर्म नियमांचि येवजण जावचाक एक महान् यज्ञ केलो. तेन्नां विश्वांतले अनेक यज्ञ सामग्रीचि निर्मिती अजून ना जालिल्यान पुरुषान स्वतःक हविरूपान अर्पण केलें. तेन्नां जे धर्म नियमं उत्पन्न जाले तेचि सर्व संसाराक आधारभूत जाले. देकून म्हणचांतु आयलें *"अयं यज्ञो भुवनस्य नाभिः । . . . यज्ञे सर्वम् समाहितं ।"* यज्ञांतु सर्वकांय समावेश जालिलें आसा.

(९७७). *यज्ञपतिः* - जो यज्ञाचो अधिपति जावनुं आसा, तो.

*"अहं हि सर्वयज्ञानां भोक्ता च प्रभुरेव च ।"* (गीता.९.२४). यज्ञाचें क्षेत्र केवल धर्मनियमं घालनुं दिवचांतु सीमित नासताना सर्व विश्वाचि उत्क्रान्त क्रियेक गति दिवचि आसता. *"यज्ञार्थात्कर्मणोऽन्यत्र लोकोऽयं कर्मबन्धनः । तदर्थं कर्म कौन्तेय मुक्तसङ्गः समाचर ॥ सहयज्ञां प्रजाः सृष्ट्वा पुरोवाचः प्रजापतिः । अनेन प्रसविष्यध्वमेष वोऽस्त्विष्टकामधुक् ॥ देवान्भावयतानेन ते देवा भावयन्तु वः । परस्परं भावयन्तः श्रेयः परमवाप्स्यथ ॥ इष्टान्भोगान् हि वो देवा दास्यन्ते यज्ञभाविताः । तैर्दत्तानप्रदायैभ्यो यो भुङ्क्ते स्तेन एव सः ॥"* (गीता.९.१२).

(९७८). *यज्वा* - जो यज्ञांतलो यजमान जावनुं आसा, तो.

यज्ञ समारंभांतलो यजमान वास्तविक परामात्माचि आसता. तेन्नां मनुष्य केवल निमित्त आनी परमात्मालो प्रतिनिधि म्हण्णुं बशिलो आसता.

(९७९). *यज्ञांगः* - जो यज्ञाचो अंग जावनुं आसा, तो.

यज्ञाकार्याचे विविध अंगाचे वर्णन करताना हरिवंशांतु यजमानाचे प्रतीक म्हण्णुं भगवंताले वराहावताराचे दृष्टांत घेतिलो आसा. *"वेदपादो यूपद्रंष्ट्रः क्रतुर्हस्तश्चितीमुखः । अग्निजिव्हो दर्भरोमा ब्रह्मशीर्षो महातपाः ॥ . . ."* वेद परमात्माले पाय आसून यज्ञांतलो यूप - खांबो - तागेलि दाडवो आसाचि; क्रतु तागेले हात आसून चित् तागेले तोंड आसा. अग्नि तागेलि जीभ आसून दर्भ तागेले रोम आसाचि. हे प्रतीकात्मक शब्दांनि श्री विष्णुले वराहावताराचे आनी यज्ञ-क्रियेचो संबंध दाखयिलो आसा.

(९८०). *यज्ञवाहनः* - जो यज्ञाचें फल प्रदान करता, तो.

भक्तांनि केलिले यज्ञाचो भोक्ता तोचि आसून यज्ञाचे पुण्य फलबी तोचि परत तांका दिता. *"सहयज्ञाः प्रजाः सृष्ट्वा पुरोवाच प्रजापतिः । अनेन प्रसविष्यध्वमेष वोऽस्त्विष्टकामधुक् ॥ देवान्भावतानेन ते देवा भावयन्तु वः । परस्परं भावयन्तः श्रेयः परमवाप्स्यथ ॥"* (गीता.३.१०-११).

*यज्ञभृद्यज्ञकृद्यज्ञी यज्ञभृग्यज्ञसाधनः ।*
*यज्ञान्तकृद्यज्ञगुह्यमन्नमन्नाद एव च ॥ १०५ ॥*

(९८१). *यज्ञभृत्* - जो यज्ञ धारण करता, तो.
(९८२). *यज्ञकृत्* - कोणाक लागून यज्ञ करचांतु येता, तो.
(९८३). *यज्ञी* - जो यज्ञाचें अंतिम लक्ष्य जावनुं आसा, तो.
(९८४). *यज्ञभुक्* - जो यज्ञाचे फल स्वीकारता, तो.
(९८५). *यज्ञसाधनः* - जो यज्ञांतु साधनरूपान आसंता, तो.
(९८६). *यज्ञान्तकृत्* - जो यज्ञाचि पूर्णता करता, तो.
(९८७). *यज्ञगुह्यम्* - जो यज्ञाचें रहस्य जावनुं आसा, तो.
(९८८). *अन्नम्* - जो यज्ञमुखांतर मेळचें अन्न आसा, तो.
(९८९). *अन्नादः* - जो यज्ञाचें अन्न भक्षण करता, तो.

हे णव नावांतु यज्ञसंस्थेंतले श्री विष्णुलें व्यापक स्वरूपाचे दर्शन आसा. विश्वांतु असलें कांयीयि ना जें परमात्माले अस्तित्वान आवरण जालिलें ना. देकून भागवत पुराणांतु चतुर्मुख ब्रह्मदेव सांगता *"यदास्य नाभ्यान्नलिनाद् अहमासं महात्मनः । नाविदं यज्ञसम्भारान् पुरुषावयवाद् ऋते ॥ तेषु यज्ञस्य पशवः सवनस्पतयः कुशाः । इदं च देवयजनं कालश्चोरुगुणान्वितः ॥ वस्तून्योषधयः स्नेहा रसलोहमृदो जलम् । ऋचो यजूंषि सामानि चातुर्होत्रं च सत्तम ॥ नामधेयानि मन्त्राश्च दक्षिणाश्च व्रतानि च । देवतानुक्रमः कल्पः संकल्पस्तन्त्रमेव च ॥ गतयो मतयः श्रद्धा प्रायश्चितं समर्पणम् । पुरुषावयवैरेते सम्भाराः सम्भृता मया ॥ इति सम्भृतसम्भारः पुरुषावयवैरहम् । तमेव पुरुषं सुसमाहितः ॥"* - ते परमात्माले नाभिकमलांतल्यान जेन्नां हांवु जन्मलो तेन्नां यज्ञास्वातीर माका ते परमपुरुषाले व्यतिरिक्त विंगड कांयी वस्तु मेळे नांचि. यज्ञाक आवश्यक आशिले पशु, वनस्पति, कुश, यज्ञस्थळ, मुहूर्त, धान्य, आयदनं, सोम, जल, भांगर, ऋग्वेदादि मंत्रं, चतुर्होत्र, दक्षिणा, कल्प-संकल्प, वगैरे वस्तु तागेले अवयवांतल्यानचि माका एकत्रित करचें पडलें. हे तरेन एकत्रित करनुं तें सर्व परमात्माकचि हांवे परत समर्पण केलें.

हे तरेन विश्वांतु परमात्माशिवाय विंगड कांयी नाशिलें, सदचां आसना, मुरवार आसूं शकनां. *"अहं हि सर्वयज्ञानां भोक्ता अ प्रभुरेव च । . . .* (देकून) *यत्करोषि यदश्नासि यज्जुहोषि ददासि यत् । यत्तप्यसि कौन्तेय तत्कुरुष्व मदर्पणम् ॥ शुभाशुभफलैरेवं मोक्ष्यसे कर्मबन्धनैः । संन्यासयोगयुक्तात्मा विमुक्तो मामुपैष्यसि ॥"* (गीता.९.२७-२८).

*आत्मयोनिः स्वयंजातो वैखानः सामगायनः ।*
*देवकीनन्दनः स्रष्टा क्षितिशः पापनाशनः ॥ १०६ ॥*

**(९९०). आत्मयोनिः - जो स्वतःचे आतरणाक स्वतः उगम स्थान जावनुं आसा, तो.**

परमात्मा कोणांपासूनयी जन्म घेना.. तो स्वयंभू आशिल्यान जगांतु अवतार धारण करताना तो आपण्यालि मायाशक्ति - प्रकृतिचो आधार घेता. *"प्रकृतिं स्वामधिष्ठाय सम्भवाम्यमायया ।"*. देकून श्री मध्वाचार्य महाभारत तात्पर्य निर्णयांतु स्पष्टायताचि *"प्रादुर्भावा हरेः सर्वे नैव प्राकृत देहिनः । निर्दोषगुणसंपूर्णा दर्शयत्यन्यथैव तु ॥ . . . वसुदेवसुतो नायं नायं गर्भेऽवसत् प्रभुः । नायं दशरथाज्जातो न चापि जमदग्नितः ॥ जायते नैव कुत्रापि म्रियते कुत्र एव तु । न वध्यो मुह्यते नायं बध्यते नैव केनचित् ॥"*

परमात्मा अजन्मा आनी नित्य आसुन सृष्टीनिर्माण जावचे पयलें तो आशिलो. *"आसीदुदारगुणवारिधिरप्रमेयो नारायणः परतमः परमात् स एकः ॥ संशांतसंविदगिलं जठरे निधाय । लक्ष्मीभुजांतरगतः स्वरतोऽपि चाग्रे ॥"* (महाभारत तात्पर्यनिर्णय).

**(९९१). *स्वयंजातः* - जो स्वतःचे शक्तिन जन्माक येता, तो**

स्वतःचे अस्तित्वाक तो स्वतः कारण आसा. *"प्रकृतिश्च प्रतिज्ञादृष्टान्तानुपरोधात् ।"* - प्रकृतीचे माध्यमांतल्यान तो जनांले दृष्टीक पडता, म्हण्णुं ब्रह्मसूत्र सांगता.

**(९९२). *वैखानः* - जो ब्रह्मतत्वाचो मूल प्रवर्तक जावनुं आसा, तो.**

परब्रह्म *विखनस्* म्हण्णुं ओळखुवचांतु येता. तें तत्व आनी तागेले पासून सुरवात जालिले संप्रदायाक *वैखानस* संप्रदाय म्हण्णुं ओळखताचि. हे संप्रदायेंतु भगवंताले विग्रहाचे पूजेक महत्व आसून भगवान विष्णुलि पूजा, जप, स्तुति आनी नामसंकीर्तन हे संप्रदायेचें महत्वाचे अंग जावनुं आसाचि.

**(९९३). *सामगायनः* - जो सर्व विश्वांतु सम भावनेचो पुरस्कर्ता आसा, तो.**

*सम* हे शब्दाचो अर्थ परमात्मा सर्वत्र एकचि रूपान व्यक्त जाला म्हण्णुं न्हंय. तागेलि भावना आनी प्रवृत्ती सर्वादिकान सम आसता. तागेलें आचरण समसमान आसता. ताका कोणाविशय प्रिती किंवा द्वेश ना. सम बुद्धि, सम भाव आनी सम भावना हे सर्वांचो अर्थ एकचि आसा. भगवद्गीतेंतु समतेचो उपदेश करचे अनेक वचनं आसाचि. *"सुखदुःखे समे कृत्वा लाभालाभौ जयाजयौ ।"* (२.३८) *"सिद्ध्यासिद्ध्योः समो भूत्वा समत्वं योग उच्यते ।"* (२.४८)

*"समोऽहं सर्वभूतेषु न मे द्वेष्योऽस्ति न प्रियः ।"* (९.२९) *"समं सर्वेषु भूतेषु तिष्ठन्त परमेश्वरम् ।"* (१३.२७) *"समं पश्यन्ति सर्वत्र समवस्थितमीश्वरम्"* (१३.२८) *"सर्वभूतस्थमात्मानं सर्वभूतानि चात्मनि । ईक्षते योगयुक्तात्मा सर्वत्र समदर्शनः ॥"* (५.३८)

**(९९४). *देवकीनन्दनः* - जो देवकीलो पुत्र कृष्ण नांवान जन्माक आयलो, तो.**

देवकीनन्दन म्हळ्यार देवकीलो पूत. पुण देवकी ही केवल श्री कृष्ण जन्माचि निमित्त जावनुं आसा. ती पूर्व जन्मांतु सुतपा प्रजापतिलि बायल पृश्नि आनी तीचि नंतरचे जन्मांतु कश्यपालि पत्नि अदिती आशिलि. तीचि मागीर वसुदेवालि बायल देवकी जावनुं जन्माक आयलि. हे तरेन तिका जन्मजन्मान परमात्माक जन्म दिवचें माध्यम जावचे भाग्य प्राप्त जालिलें आसा.

शिवाय परमात्मा कोणांलोयि पूत नासता किंवा कोणियी तागेले आवय आसना. व्यवहाराचे द्रिश्टीन कृष्णावतारांतु देवकीलो पूत म्हण्णुं तो ओळखुवचांतु आयलो. देकून देवकीक कृष्ण आपण्याले चतुर्भुज स्वरूप दाखोवनुं सांगता, *"एतद् वा दर्शितं रूपं प्राग्जन्मस्मरणाय मे । नान्यथा मद्भवं ज्ञानं मर्त्यलिङ्गेन जायते ॥ युवां मां पुत्रभावेन ब्रह्मभावेन चासकृत् । चिन्तयन्तो कृतस्नेहौ यास्येथे मद्गतिं पराम् ॥"* -[1]तुका (निमित्त करनुं) हांवे घेतिले मागशीचे अवताराचे उडगास करनुं दिवचे आनी मेगेले यथास्वरूपाचे ज्ञान दिवचे स्वातीर हें अद्भुत रूप, जे अन्यांक दीसना, तुका दाखयल्यां. हांवु तुगेलो पूत आसल्यारियी सर्व व्यापक परब्रह्म म्हण्णुं माननुं मेगेले वयर प्रीत कर. तशें केलिल्यान तुमीं दोगंयी मेगेले परम पद प्राप्त करताले.

वास्तविक देवकी हीबी सामान्य मानव नासताना सर्वविश्वाचि माता जावनुं आसा. महाभारतांतु सांगिल्ले तरेन *"ज्योतींषि शुक्राणि च यानि लोके त्रयो लोका लोकपालास्त्रयी च । त्रयोऽग्नयश्चाहुतयश्च पञ्च सर्वे देवा देवकीपुत्र एव ।"* - सर्व लोकांतलि ज्योति, तीन लोक, चार दिक्पालक, तीन वेद, तीन अग्नि, पांच आहुति आनी सर्व देव हे देवकीलेचि संतान जावनुं आसाचि.

**(९९५). *स्रष्टा* - जो सर्व सृष्टीचो निर्माता आसा, तो.**
**(९९६). *क्षितिषः* - जो पृथ्वीचो स्वामी जावनुं आसा, तो.**

सर्व सृष्टीचें निर्माण करनुं श्रीमन्नारायणाचि हिरण्यगर्भरूपान ताजो अधिपति जालो. हिरण्यगर्भः समवर्तताग्रे भूतस्य जातः पतिरेक आसीत् । स दाधार पृथिवीं द्याम् उतेमां कस्मै देवाय हविषा विधेम ॥ (ऋग्वेद.१०.१२१.५)

**(९९७). *पापनाशनः* - जो भक्तांले सर्व पाप नाश करता, तो.**

जो भक्त परमात्माक शरण वता, जो तागेले प्रति मन लागयता, तागेलो भक्त जाता, तागेले स्वातीर यज्ञ करता, ताका नमस्कार करता, तो परमात्माक प्राप्त करता. असले भक्तांक भगवंत सदाकाल अनुग्रह करता. *"सर्वधर्मान्परित्यज्य मामेकं शरणं व्रज । अहं त्वा सर्वपापेभ्यो मोक्षयिष्यामि मा शुचः ॥"* (गीता.१८.६६) - श्री कृष्णाले भक्तांक दिलिलें हें आश्वासन आसा.

*शंखभृन्नन्दकी चक्री शार्ङ्गधन्वा गदाधरः ।*
*रथाङ्गपाणिरक्षोभ्यः सर्वप्रहरणायुधः ॥ १०७ ॥*

भारतीय अध्यात्म परंपरेंतु शक्ति उपासनेक अत्यंत महत्व आसा. वास्तविक विश्वाचे मूळांतुचि पुरुष आनी शक्तिचें समन्वय आसा. श्री मध्वाचार्यांनि हे *"समन्वय नारायणः परतमः परमात् स एकः लक्ष्मीभुजांतर्गतः"* म्हण्णुं वर्णन केलिलें आसा. भारतीय दैवत संघांतले सर्व देव श्रीमन्नारायणाले शक्तिचे प्रतीक आसून ते आप-आपण्याले शक्तिसयत प्रगट जाताचि. आनी साधक सुद्धां *"सशक्तिकं आवाहयामि"* म्हण्णुं ते ते देवांले अनुग्रहाचि अपेक्षा करता. भगवंताले विश्वरूप दर्शनान सहर्ष आनी भयान रोमांचित जालिलो अर्जुनबी चार हातांतु आयुधं धरिले श्रीकृष्णालें रूप पोळेवचि इच्छा धरता - *"अदृष्टपूर्वं हृषितोऽस्मि दृष्ट्वा भयेन च प्रव्यथितं मनो मे । तदेव मे दर्शय देव रूपं प्रसीद*

"समोऽहं सर्वभूतेषु न मे द्वेष्योऽस्ति न प्रियः ।" (९.२९) "समं सर्वेषु भूतेषु तिष्ठन्त परमेश्वरम् ।" (१३.२७) "समं पश्यन्ति सर्वत्र समवस्थितमीश्वरम्" (१३.२८) "सर्वभूतस्थमात्मानं सर्वभूतानि चात्मनि । ईक्षते योगयुक्तात्मा सर्वत्र समदर्शनः ॥" (५.१८)

**(९९४). *देवकीनन्दनः* - जो देवकीलो पुत्र कृष्ण नांवान जन्माक आयलो, तो.**

देवकीनन्दन म्हळ्यार देवकीलो पूत. पुण देवकी ही केवल श्री कृष्ण जन्माचि निमित्त जावनुं आसा. ती पूर्व जन्मांतु सुतपा प्रजापतिलि बायल पृश्नि आनी तीचि नंतरचे जन्मांतु कश्यपालि पत्नि अदिती आशिलि. तीचि मागीर वसुदेवालि बायल देवकी जावनुं जन्माक आयलि. हे तरेन तिका जन्मजन्मान परमात्माक जन्म दिवचें माध्यम जावचे भाग्य प्राप्त जालिलें आसा.

शिवाय परमात्मा कोणांलोयि पूत नासता किंवा कोणियी तागेले आवय आसना. व्यवहाराचे द्रिश्टीन कृष्णावतारांतु देवकीलो पूत म्हण्णुं तो ओळखुवचांतु आयलो. देकून देवकीक कृष्ण आपण्णाले चतुर्भुज स्वरूप दाखोवनुं सांगता, "एतद् वा दर्शितं रूपं प्राग्जन्मस्मरणाय मे । नान्यथा मद्भवं ज्ञानं मर्त्यलिङ्गेन जायते ॥ युवां मां पुत्रभावेन ब्रह्मभावेन चासकृत् । चिन्तयन्तो कृतस्नेहौ यास्येथे मद्गतिं पराम् ॥" -[1]तुका (निमित्त करनुं) हांवे घेतिले मागशीचे अवताराचे उडगास करनुं दिवचे आनी मेगेले यथास्वरूपाचे ज्ञान दिवचे खातीर हें अद्भुत रूप, जे अन्यांक दीसना, तुका दाखयल्यां. हांवु तुगेलो पूत आसल्यारियी सर्व व्यापक परब्रह्म म्हण्णुं माननुं मेगेले वयर प्रीत कर. तशें केलिल्यान तुमीं दोगंयी मेगेले परम पद प्राप्त करताले.

वास्तविक देवकी हीबी सामान्य मानव नासताना सर्वविश्वाचि माता जावनुं आसा. महाभारतांतु सांगिल्ले तरेन "ज्योतींषि शुक्राणि च यानि लोके त्रयो लोका लोकपालास्त्रयी च । त्रयोऽग्नयश्चाहुतयश्च पञ्च सर्वे देवा देवकीपुत्र एव ।" - सर्व लोकांतलि ज्योति, तीन लोक, चार दिक्पालक, तीन वेद, तीन अग्नि, पांच आहुति आनी सर्व देव हे देवकीलेचि संतान जावनुं आसाचि.

**(९९५). *स्रष्टा* - जो सर्व सृष्टीचो निर्माता आसा, तो.**
**(९९६). *क्षितिषः* - जो पृथ्वीचो स्वामी जावनुं आसा, तो.**

सर्व सृष्टीचें निर्माण करनुं श्रीमन्नारायणाचि हिरण्यगर्भरूपान ताजो अधिपति जालो. हिरण्यगर्भः समवर्तताग्रे भूतस्य जातः पतिरेक आसीत् । स दाधार पृथिवीं द्याम् उतेमां कस्मै देवाय हविषा विधेम ॥ (ऋग्वेद.१०.१२१.५)

**(९९७). *पापनाशनः* - जो भक्तांले सर्व पाप नाश करता, तो.**

जो भक्त परमात्माक शरण वता, जो तागेले प्रति मन लगयता, तागेलो भक्त जाता, तागेले खातीर यज्ञ करता, ताका नमस्कार करता, तो परमात्माक प्राप्त करता. असले भक्तांक भगवंत सदाकाल अनुग्रह करता. "सर्वधर्मान्परित्यज्य मामेकं शरणं व्रज । अहं त्वा सर्वपापेभ्यो मोक्षयिष्यामि मा शुचः ॥" (गीता.१८.६६) - श्री कृष्णाले भक्तांक दिलिलें हें आश्वासन आसा.

*शंखभृन्नन्दकी चक्री शार्ङ्गधन्वा गदाधरः ।*
*रथाङ्गपाणिरक्षोभ्यः सर्वप्रहरणायुधः ॥ १०७ ॥*

भारतीय अध्यात्म परंपरेंतु शक्ति उपासनेक अत्यंत महत्व आसा. वास्तविक विश्वाचे मूळांतुचि पुरुष आनी शक्तिचें समन्वय आसा. श्री मध्वाचार्यांनि हे "समन्वय नारायणः परतमः परमात् स एकः लक्ष्मीभुजांतर्गतः" म्हण्णुं वर्णन केलिलें आसा. भारतीय दैवत संघांतले सर्व देव श्रीमन्नारायणाले शक्तिचे प्रतीक आसून ते आप-आपण्याले शक्तिसयत प्रगट जाताचि. आनी साधक सुद्धां "सशक्तिकं आवाहयामि" म्हण्णुं ते ते देवांले अनुग्रहाचि अपेक्षा करता. भगवंताले विश्वरूप दर्शनान सहर्ष आनी भयान रोमांचित जालिलो अर्जुनबी चार हातांतु आयुधं धरिले श्रीकृष्णालें रूप पोळेवचि इच्छा धरता - "अदृष्टपूर्वं हृषितोऽस्मि दृष्ट्वा भयेन च प्रव्यथितं मनो मे । तदेव मे दर्शय देव रूपं प्रसीद

*देवेश जगन्निवास ।। किरीटिनं गदिनं चक्रहस्तमिच्छामि त्वां द्रष्टुमहं तथैव । तेनैव रूपेण चतुर्भुजेन सहस्रबाहो भव विश्वमूर्ते ।।"* (गीता. ११.४५-४६).

(९९८). *शंखभृत्* - जो पाञ्चजन्य नांवाचो शंख धारण करता, तो.
(९९९). *नन्दकी* - जो नन्दक नावाचे तलवार धारण करता, तो.
(१०००). *चक्री* - जो सुदर्शन नांवाचे चक्र धारण करता, तो.
(१००१). *शार्ङ्गधन्वा* - जो शार्ङ्ग नांवाचो धनुष्य धारण करता, तो.
(१००२). *गदाधरः* - जो कौमुदिकी नांवाचे गदा धारण करता, तो.
(१००३). *रथाङ्गपाणिः* - जो कुरुक्षेत्र रणांगणांतु रथाचें चक्रचि आयुध म्हण्णुं धारण करता, तो.
(१००४). *अक्षोभ्यः* - जो कठीण प्रसंगांतु सुद्धां प्रक्षुब्ध जायना, तो.
(१००५). सर्वप्रहरणायुधः - जो सर्व परिस्थितींतु प्रहार करचिं आयुधं धारण करता, तो.

*सर्वप्रहरणायुध ॐ नम इति ।।*

श्री शंकराचार्यांनि विष्णु सहस्रनामांवयर बरयिलें भाष्याचे अखेरीक *सर्वप्रहरणायुधः* हे शब्दाचें विवेचन सविस्तर आनी सुंदर रीतीन केल्लिें आसा. वास्तविक परमात्माक आयुधांचि गरजचि ना. नारसिंहाले अवतारांतु ताणें नांगटांचो वापर केल्यार, वामनावतारांतु आपण्यालो पाय आनी कृष्णावतारांतु मुष्टिप्रहार केलो. करुणाकर नांवान ओळखुचे अर्जुनाक तागेले दोळे विस्तारान जळचे *'दीप्तविशालनेत्र'* दिसताचि; हिरण्यकशिपूक वध करताना तागेले दोळे *'संरभदुष्प्रेक्ष्यकराललोचनो'* आशिले. देकून *"अन्ते सर्वप्रहरणायुध इति वचनं सत्यसंकल्पत्वेन सर्वेश्वरत्वं दर्शयितुम् ।"* - अखेरिक *सर्वप्रहरणायुध* म्हळ्ळे नांवान श्री विष्णुसहस्रनाम स्तोत्र परमात्मालें सत्य संकल्प आनी तागेलें सर्वेश्वर स्वरूप स्पश्ट करचांतु येता. *"धन्य तदेव लग्नं तन्नक्षत्रं तदेव पुण्यमहः । करणस्य च सा सिदिर्ध्यत्र हरिः प्राङ् नमस्क्रियते ।।"* - तोचि लग्न आनी नक्षत्राचो तोचि पुण्य क्षण, तोचि शुभ दिवस आनी तेंचि फलद्रूपी कर्म आसता जेन्नां श्री विष्णूक प्रप्रथम नमस्कार करचांतु येता.

*"एकोऽपि कृष्णे सुकृतः प्रणामो दशाश्वमेधावभृथेन तुल्यः । दशाश्वमेधी पुनरेति जन्म कृष्णप्रणामी न पुनर्भवाय ।। अतसीपुष्पसंकाशं पीतवाससमच्युतम् । ते नमस्यन्ति गोविन्दं न तेषां विद्यते भयम् ।। लोकत्रयाधिपतिमप्रतिमप्रभावमीषत्प्रणस्य शिरसा प्रभविष्णुमीषम् । जन्मान्तरप्रलयकल्पसहस्रजातमाशु प्राणाशमुपयाति नरस्य पापम् ।।"* - श्री कृष्णाक मनापासून केल्लिलो एक नमस्कारवी धा अश्वमेध यज्ञ केल्लिें पुण्य मेळ्यता. धा अश्वमेध यज्ञ केल्लिलो मनुष्य कदाचित् परत जन्माक येत, पुण श्री कृष्णाक नमस्कार केल्लिलो मनुष्य केन्नांचि जन्माक येना. गोविन्दाक नमस्कार केल्लिले मनुष्याक केन्नांयी भय ना. पूर्व जन्मांतु, हजार कल्पांतु आनी प्रलयांतु केल्लिले पापकर्म सुद्धां ते तीन लोकांचे अधिपती श्री विष्णूक नमस्कार केल्लिल्यान धूंवनुं वताचि.

विश्वनिर्मिती नंतर ॐकाराचो प्रतिध्वनिचो पयले प्रथम झकार जाले पासून अनंत शब्दांचो अविष्कार आकाशांतु घुमघुमत आसा. शब्दाचें सामर्थ्य शब्दोच्चारा पेल्तडेन पसरत आसून श्री विष्णु सहस्रनामांतले प्रत्येक नांव प्रत्येक शक्तिचें प्रतीक जावनुं आसा. प्रत्येक नांवाचे उच्चारान साधक जरी आपण्याले जीवनांतु शक्तीचो किंचित् अंशाचो आस्वाद घेता तरी तागेलें जीवन सदा जाग्रत, सदा जागरूक आनी सदा तत्पर आसतालें. तागेलें कर्म *यज्ञमय* आनी जीवन *विष्णुमय* जातालें. भगवंताले सहस्रनांवांचे स्मरण केल्लिल्यान भगवंताले नावांतली अनंततेचो अनुभव जाता.

देकून :

*"नमोऽस्त्वनन्ताय सहस्रमूर्तये सहस्रपादाक्षिशिरोरुबाहवे । सहस्रनाम्ने पुरुषाय शाश्वते सहस्रकोटा युगधारिणे नमः ।।"*

• • •

## फलश्रुति

*॥ भीष्म उवाच ॥*

*इतिदं कीर्तनीयस्य केशवस्य महात्मनः ।*
*नाम्नां सहस्रं दिव्यानामशेषेण प्रकीर्तितम् ॥*

भीष्म सांगता :

- हे तरेन महात्मा श्री केशवालें, कीर्तन करचाक योग्य असलें, दिव्य सहस्रनावं हांवे सांगल्याचि.

*य इदं श्रुणुयान्नित्यं यश्चापि परिकीर्तयेत् ।*
*नाशुभं प्राप्नुयात् किंचित् सोऽमुत्रेह च मानवः ॥*

- जे मानव हें सहस्रनाम नित्य आयकताचि, पठन किंवा कीर्तन करताचि तांका हे लोकांतु किंवा परलोकांतु अशुभ. कांयी येवचें ना.

*वेदान्तगो ब्राह्मणः स्यात् क्षत्रियो विजयी भवेत् ।*
*वैश्यो धनसमृद्धः स्याच्छूद्रः सुखमवाप्नुयात् ॥*

- ब्राह्मण आशिले वेदान्त पारंगत करताले, क्षत्रिय आशिले विजय प्राप्त करताले, वैश्य धनान समृद्ध जाताले आनी शूद्रांक सर्व सुख मेळताले.

- सहस्रनामाचे जप केलिल्यान ब्राह्मणांक वेदज्ञान, क्षत्रियांक विजय, वैश्यांक समृद्धि आनी शूद्रांक सर्व सुख मेळता म्हण्णुं तोंडान यंत्रातरेन जप केल्यार मोक्ष मेळना. नावां मागशीं आशिलें रहस्याचें ज्ञान प्राप्त केलिल्यान मोक्ष मेळता. कर्म केलिल्यान तन आनी मन शुद्ध जाता आनी मनुष्याक ज्ञानप्राप्तीचो अधिकार मेळता. अंतःकरणांतले परमात्मालो साक्षात्कार जाता. *"योगिनः कर्म कुर्वन्ति सङ्गं त्यक्त्वात्मशुद्धये ।"* म्हण्णुं गीतेंतु (५.११) सांगल्यां. तेचि तरेन *"तमेतं वेदानुवचनेन ब्राह्मणा विविदिषन्ति यज्ञेन दानेन तपसानाशकेन ।"* (बृहदारण्यकोपनिषद) *"ज्ञानादेव तु कैवल्यं प्राप्यते तेन मुच्यते ।"* (तैत्तिरीयोपनिषद) *"तमेव विदित्वातिमृत्युमेति नान्यः पन्था विद्यतेऽयनाय ।"* (श्वेताश्वतरोपनिषद) ज्ञानाचें महत्व सांगचांतु आयल्यां. श्री कृष्ण *"न हि ज्ञानेन सदृशं पवित्रमिह विद्यते । तत्स्वयं योगसंसिद्धः कालेनात्मनि विन्दति ॥"* म्हण्णुं गीतेंतु (४.३८) सांगता.

*धर्मार्थी प्राप्नुयाद् धर्ममर्थार्थी चार्थमाप्नुयात् ।*
*कामानवाप्नुयात् कामी प्रजार्थी चाप्नुयात् प्रजाम् ॥*

धर्माचि इच्छा करताले धर्म प्राप्त करता; धनाचि इच्छा करताले धन संपादन करता; भोगैश्वर्याचि इच्छा करतालो भोगैश्वर्य प्राप्त करता आनी संतती इच्छा करतालो संतती प्राप्त करता.

*भक्तिमान् यः सदोत्थाय शुचिस्तद्गतमानसः ।*
*सहस्रं वासुदेवस्य नाम्नामेतत् प्रकीर्तयेत् ॥*
*यशः प्राप्नोति विपुलं ज्ञातिप्राधान्यमेव च ।*
*अचलां श्रियमाप्नोति श्रेयः प्राप्नोत्यनत्तमम् ॥*

- जे दरदिवस उठले नंतर पवित्र मनान आनी भक्तीन वासुदेवाले नामस्मरण करताचि ते विपुल यश मेळोवनुं समाजांतु कीर्त, अचल संपत्ति आनी उत्तम श्रेय प्राप्त करताचि.

*न भयं क्वचिदाप्नोति वीर्यं तेजश्च विन्दति ।*
*भवत्यरोगो द्युतिमान् बलरूपगुणान्वितः ॥*

- तांका भय येवचें ना, वीर्य आनी तेज मेळिल्यान ते निरामय, कांतिमान, बलवान, रूपवान आनी गुणवान जाताले.

*रोगार्तो मुच्यते रोगाद् बद्धो मुच्यते बन्धनात् ।*
*भयान्मुच्येत भीतस्तु मुच्येतापन्न आपदः ॥*

- रोगी रोगांतल्यान सुटतालो, बन्धनांतु आशिलो मुक्त जातालो, भीवचो निर्भय जातालो आनी संकटांतल्यान सुटकारो पावतालो

*दुर्गाण्यतितरत्याशु पुरुषः पुरुषोत्तमम् ।*
*स्तुवन्नामसहस्रेण नित्यं भक्तिसमन्वितः ॥*

- जो पुरुष पुरुषोत्तमाले सहस्रनावांचे नित्य भक्तिन स्तवन करता, तो सर्व विघ्नांतल्यान सुटता.

*वासुदेवाश्रयो मर्त्यो वासुदेवपरायणः ।*

*सर्वपापविशुद्धात्मा याति ब्रह्म सनातनम् ॥*

- जो मनुष्य वासुदेवालो आश्रय घेता तो वासुदेवाले भक्तिक पात्र जावनुं सर्व पापांपासून मुक्त जाता आनी सनातन ब्रह्मत्वाक पावता.

*न वासुदेवभक्तानामशुभं विद्यते क्वचित् ।*
*जन्ममृत्युजराव्याधिभयं नैवोपजायते ॥*

- वासुदेवाले भक्तांक केन्नांयी अशुभ येना, आनी जन्म, मरण, म्हांतारपण आनी रोगाचें भय आसना.

*इमं स्तवमधीयानः श्रद्धाभक्तिसमन्वितः ।*
*युज्येतात्मसुखक्षान्तिश्रीधृतिस्मृतिकीर्तिभिः ॥*

- जो मनुष्य हें स्तोत्र भक्ति आनी श्रद्धेन पठन करता तागेले आत्माक सुख, क्षमा, लक्ष्मी, धैर्य, स्मृति आनी कीर्ति प्राप्त जाता.

*न क्रोधो न च मात्सर्यं नलोभो नाशुभा मतिः ।*
*भवन्ति कृतपुण्यानां भक्तानां पुरुषोत्तमे ॥*

- पुरुषोत्तमांतु भक्ति आशिलो पुण्यशाली मनुष्याक क्रोध, ईर्ष्या, लोभ किंवा अशुभ बुद्धि येना.

*द्यौः सचन्द्रार्कनक्षत्रा खं दिशो भूर्महोदधिः ।*
*वासुदेवस्य वीर्येण विधृतानि महात्मनः ॥*

- स्वर्ग, सूर्य, चन्द्र, तेचि तरेन नक्षत्रां सयत आकाश, दिशा, पृथ्वी, महासागर हे सर्व महात्मा श्री वासुदेवाले प्रतापान झांकिले आसाचि.

*ससुरासुरगन्धर्वं सयक्षोरगराक्षसम् ।*
*जगद्वशे वर्ततेदं कृष्णस्य सचराचरम् ॥*

- देव, दैत्य, गंधर्व, यक्ष, सर्प, आनी राक्षस तसले सर्व चराचर जगत् श्री कृष्ण परमात्माले आधीन आसा.

*इन्द्रियाणि मनो बुद्धिः सत्वं तेजो बलं धृतिः ।*
*वासुदेवात्मकान्याहुः क्षेत्रं क्षेत्रज्ञ एव च ॥*

- इन्द्रियं, मन, बुद्धि, सत्व, तेज, बल, धैर्य आनी शरीर हे सर्व वासुदेवचि आसा म्हण्णुं वेद जाणताले सांगताचि.

*सर्वागमानाचारः प्रथमं परिकल्पते ।*
*आचारः प्रथमो धर्मो धर्मस्य प्रभुरच्युतः ॥*

- सर्व शास्त्रांतु आचार मुख्य आसा. आचारांतल्यान धर्माचि उत्पत्ति जाता. आनी धर्माचो स्वामी साक्षात् प्रभु अच्युत आसा.

*ऋषयः पितरो देवा महाभूतानि धातवः ।*

*जङ्गमाजङ्गमं चेदं जगन्नारायणोद्भवम् ॥*

- ऋषी, पितृ, देव, पंचमहाभूतं, धातु, स्थावर आनी जंगम-जगत् श्रीमन्नारायणानचि निर्माण केलिलें आसा.

*योगो ज्ञानं तथा सांख्यं विद्याः शिल्पादि कर्म च ।*
*वेदाः शास्त्राणि विज्ञानमेतत्सर्वं जनार्दनात् ॥*

- योग, ज्ञान, सांख्य, विद्या, शिल्पादि कर्म, वेद, शास्त्र, विज्ञान हीं सर्व भगवान जनार्दनापासूनचि निर्माण जालिलीं आसाचि.

***एको विष्णुर्महद्भूतं पृथग्भूतान्यनेकशः ।***
***त्रीन् लोकान् व्याप्य भूतात्मा भुङ्क्ते विश्वभुगव्ययः ॥***

- श्री विष्णु एकमात्र महान् अद्भुत आसा, जो विंग-विंगड प्राणिपदार्थरूपान तीन लोकांतु व्यापून आसा आनी सर्व भूतजातींतु आशिलो तो अविनाशी आत्मा विश्वभोक्ता आसून सर्वांक भोग दिता.

*इमं स्तवं भगवतो विष्णोर्व्यासेन कीर्तितम् ।*
*पठेद्य इच्छेत् पुरुषः श्रेयः प्राप्तुं सुखानि च ॥*

- जो मनुष्य कल्याण आनी सुख प्राप्त करचि इच्छा धरता ताणें श्री व्यासांनि सांगिले हे श्री विष्णु स्तोत्राचें पठन करचाक जाय.

*विश्वेश्वरमजं देवं जगतः प्रभवाप्ययम् ।*
*भजन्ति ये पुष्कराक्षं न ते यान्ति पराभवम् ॥*
*न ते यान्ति पराभवम् ॐ नमो इति ॥*

- जो प्रभु विश्वाचो ईश्वर आसा, अजन्मा आसा, जगाचि उत्पत्ति आनी प्रलय करता, कोणांले दोळे कमलातरेन आसाचि तागेलें भजन जो करता तागेलो पराभव केन्नांयी जावचो ना.

*ॐ ! ताका नमस्कार आसूं.*

*॥ अर्जुन उवाच ॥*

*पद्मपत्रविशालाक्ष पद्मनाभ सुरोत्तम ।*
*भक्तानामनुरक्तानां त्राता भव जनार्दन ॥*

अर्जुन म्हणालो :

- हे कमलापाना तरेन विशाल दोळे आशिलो, बेंबलींतु कमल धारण केलिलो, देवांतु उत्तम देव जनार्दना, तूं भक्तजनांलो रक्षणकर्ता जावनुं आसा.

*श्री भगवानुवाच*

*यो मां नामसहस्रेण स्तोतुमिच्छति पांडव ।*
*सोऽहमेकेन श्लोकेन स्तुत एव न संशयः ।*

*यो नरः पठते नित्यं त्रिकालं केशवालये ।*
*द्विकालमेककालं वा क्रूरं सर्वं व्यपोहति ॥*

- जो मनुष्य देवमंदिरांतु नित्य तीन काळ, दोन काळ, एक काळ श्री विष्णु सहस्रनामाचें पठन करता, तो सर्व पापकर्म दूर करता.

*दह्यन्ते रिपवस्तस्य सौम्याः सर्वे सदा ग्रहा ।*
*विलीयन्ते च पापानि स्तवे ह्यस्मिन्प्रकीर्तते ॥*

- जे जन हे स्तोत्राचे पठन करताचि तांगेले शत्रु भस्म जाताचि, तांगेले सर्व ग्रह शांत जाताचि आनी तांगेले सर्व पापं नाश जाताचि.

*येन ध्यातः श्रुतौ येन येनायं पठते स्तवः ।*
*दत्तानि सर्वदानानि सुराः सर्वे समर्चिताः ॥*

- जे कोणें हें स्तोत्राचे ध्यान, श्रवण किंवा पठन केल्यां ताणें सर्व दान आनी सर्व देवांलि यथोचित पूजा केल्या म्हण्णुं मानयेत.

*इहं लोके परे वापि न भयं विद्यते क्वचित् ।*
*नाम्नां सहस्रं योऽधिते द्वादश्यां मम सन्निधौ ॥*
*शनैर्दहति पापानि कल्पकोटिशतानि च ।*
*अश्वत्थसन्निधौ पार्थ तुलसीसन्निधौ तथा ॥*
*पठेन्नामसहस्रं तु गवां कोटिफलं लभेत् ।*
*शिवालये पठेन्नित्यं तुलसीवनसंस्थितः ।*
*नरो मुक्तिमवाप्नोति चक्रपाणेर्वचो यथा ।*
*ब्रह्महत्यादिकं घोरं सर्वपापं विनश्यति ॥*

- जो मनुष्य द्वादशी दिवस मेगेले लागीं बसून हे सहस्रनामाचें पठन करता, ताका हे लोकांतु किंवा परलोकांतु कांयी भय आसचें ना. कोटि कल्पांचे पापवी सावकाश सावकाश नाश जाता. हे अर्जुना, जो मनुष्य पिंपळाचे झाडालागीं किंवा तुलसीलागीं बसून विष्णु सहस्रनामांचें पठन करता, तो कोटि गायी दान केल्लिलें फळ प्राप्त करता. आनी जो मनुष्य दरदिवस शिवालयांतु किंवा तुलसी वनांतु बसून नित्य पाठ करता ताका मोक्ष मेळ्ता आनी ब्रह्महत्येचें घोर पापवी नाश जाता : हें चक्रधारी भगवंताले वचन आसा.

*इति श्री महाभारते अनुशासन पर्वणि भीष्म युधिष्ठिर संवादे*
*श्री विष्णोः दिव्य सहस्रनाम स्तोत्रं संपूर्णम् ॥ श्री कृष्णार्पणमस्तु ॥ ॐ तत्सत् ॥*